ಕೆನರಾ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ವೊವಿಯೊ

ಕೊಂಕಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚಿಂ ಅಧ್ಯಯನ್ ಲೇಕನಾಂ

केनरा कातोलिक काजारांनी वोवियो

कोंकणी संस्कृतिचीं अध्ययन लेकनां

8322
Articles → KON
VAL

ಮಾ। ಮಾಯ್ಕಲ್ ಸಾಂತುಮಾಯೊರ್

मा। माय्कल सांतुमायोर

ದೇವ್ ಬರೆಂ ಕರುಂ देव बरें करूं Dev Borem Kor

ಪುಸ್ತಕ್ ಪೋಶಕ್:
ಮಾನೆಸ್ತ್ ಜೋನ್ ಎರಲ್ ಸಾಮುವೆಲ್
ಅನಿ ಕುಟಮ್, ದುಭಾಯ್

पुसतक पोशाक:
मानेसत जोन एरल सामुवेल
अनी कुटम, दुभाय

Pustok Poxok:
Manest John Erol Samuel
ani Kuttom', Dubai

ಕೆನರಾ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ವೊವಿಯೊ

ಕೊಂಕಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚಿಂ ಅಧ್ಯಯನ್ ಲೇಕನಾಂ

ಮಾ। ಬಾ। ಮಾಯ್ಕಲ್ ಸಾಂತುಮಾಯೊರ್

केनरा कातोलिक काजारांनी वोवियो

कोंकणी संस्कृतिचीं अध्ययन लेकनां

मा। बा। माय्कल सांतुमायोर

KONKANI BHAS ANI SANSKRITI PRATHISTAN (R)
World Konkani Centre, Lobo Prabhu Nagar, Konkani Gaon, Shakthinagar, Mangaluru, 575 016.

8322
Articles > Kon
VAL

ಕೊಂಕಣ್‌ಗಾರ್ ಪ್ರಕಾಶನ್
कोंकणगार प्रकाशन

'Canara Konkani Kazarani Voveo' *- A book of research articles on Canara Christian Konkani Culture by Fr. Michael Santhumayor, transliteraterated by Valley Quadros and published by* ***Konkonngar Prokoxon, Goa.***

(C) KONKONNGAR PROKOXON

First Edition	:	2020
Copies	:	750
Cover	:	Pinto Vamanjoor
Layout	:	Assisi Press, Mangalore
Pages	:	286+4
Price	:	Rs.350
ISBN	:	978-81-944839-3-9

For communication

Email	:	konkonngar@gmail.com
WhatsApp	:	7021967880
Twitter	:	@valleyquadras

कोंकणगार प्रकाशनाचे बूक

१. माडा थावन तेलाखणी परयांत
आंटोनियो वेरोनिका फेर्नांडिसाच्या इंग्लिश बुकाचें कोंकणी अनुवाद
लिपियंतर आनी संपादन – वल्ली क्वाड्रस
मोल: रु. २५०
ISBN: 978-81-944839-0-8

२. सांकव
वल्ली क्वाड्रसाचो वेंचीक कथा जमो
मोल: रु. २००
ISBN: 978-81-944839-1-5

३. मयलाफातर
राश्ट्रीय कविता संकलन
लिपियंतर आनी संपादन – वल्ली क्वाड्रस
मोल: रु. २००
ISBN: 978-81-944839-2-2

४. केनरा कातोलिक काजारांनी वोवियो
कोंकणी संस्कृतिचीं अध्ययन लेकनां
मा। बा। माय्कल सांतुमायोर
मोल: रु. ३५०
ISBN: 978-81-944839-3-9

Email : konkonngar@gmail.com | WhatsApp : 7021967880



संदेश

वोवियो वेर्स आमच्या केनरा क्रिसतांवांचें एक सांसकृतीक दायज. आमच्या मालघड्यांनी काजारां-सोभाणांवेळार ह्यो वोवियो वेर्स वापार केल्ल्यान अजून म्हणासर ही संसकृती राकोन सांबाळ्ळ्या. तरी अधुनीक व्यवहारीक समाजेच्या वोस्याक लागोन आज ही आमची ग्रेसत संसकृती असकत जावन एक दीस नपंयच जांवची भिरांत धोसता.

वोवियो वेर्स आदल्या काळार काजारा पयलें होकले नोवऱ्याक बूदबाळ सांगची शिकवण म्हणच्याक दुबाव नां. असली ग्रेसत संसकृती राकोन सांबाळिजाय. वोवियांचो भर्पूर वापार आमच्या काजारां सोभाणांनी करिजाय. हाची रूच आनी समजोणी आमच्या यूव पिळगेन जोडून घेजय आनी आशें ती सांबाळन मुकार व्हरिजाय म्हळ्ळी म्हजी आशा.

मा. बा. मैकल सांतुमायोर, प्रांशुपाल, मिलार कोलेज, मंगळूर तांच्या याजकी जिण्येच्या रुप्योत्सवाच्या सुवाळ्यार "केनरा कातोलीक काजारांनी वोवियो" म्हळ्ळें पुसतक उग्तावणाक हाडता म्हळ्ळी गजाल संतोसाची. हें पुसतक वोवियां संसकृतेक एक अधार साहित्य जातेलें.

वोवियां संसकृती विश्यांत संशोधन करनो हो पुसतक तयार केल्ल्याक तांकां म्हजे उल्लास. ह्या मुकांत्र वोवियां संसकृतिचे चडीत जाणवाय आमच्या समाजेक तशें युवजणांक लाभों आनी ही बरी संसकृती मुकल्या पिळगेक हसतांतर जांव म्हण म्हजी आशा.

०२-०३-२०२०
सां. जुजेची सेमिनरी, जेप्पू

+ [signature]

अ. मा. दो. लुवीस पावल सोज
मंगळूर दियेसेजिचो निवृत्त बिस्प

ಸಂದೇಶ್

ವೊವಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೆನರಾ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವಾಂಚೆಂ ಎಕ್ ಸಾಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ದಾಯ್ಜ್. ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂನಿ ಕಾಜಾರಾಂ-ಸೊಭಾಣಾಂವೆಳಾರ್ ಹ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ವಾಪಾರ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಅಜೂನ್ ಮ್ಹಣಾಸರ್ ಹಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ರಾಕೊನ್ ಸಾಂಬಾಳ್ಳ್ಯಾ. ತರೀ ಅಧುನಿಕ್ ವ್ಯವಹಾರಿಕ್ ಸಮಾಜೆಚ್ಯಾ ವೊಸ್ಯಾಕ್ ಲಾಗೊನ್ ಆಜ್ ಹಿ ಆಮ್ಚಿ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಅಸ್ಕತ್ ಜಾವ್ನ್ ಎಕ್ ದೀಸ್ ನಪಂಯ್ಚ್ ಜಾಂವ್ಚಿ ಭಿರಾಂತ್ ಧೊಸ್ತಾ.

ವೊವಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಕಾಜಾರಾ ಪಯ್ಲೆಂ ಹೊಕ್ಲೆ ನೊವ್ರ್ಯಾಕ್ ಬೂದ್‌ಬಾಳ್ ಸಾಂಗ್ಚಿ ಶಿಕವ್ಣ್ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾಕ್ ದುಬಾವ್ ನಾಂ. ಅಸಲಿ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ರಾಕೊನ್ ಸಾಂಬಾಳಿಜಾಯ್. ವೊವಿಯಾಂಚೊ ಭರ್ಪೂರ್ ವಾಪಾರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಂ ಸೊಭಾಣಾಂನಿ ಕರಿಜಾಯ್. ಹಾಚಿ ರೂಚ್ ಆನಿ ಸಮ್ಜೊಣಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಯುವ ಪಿಳ್ಗೆನ್ ಜೊಡುನ್ ಘೆಜಯ್ ಆನಿ ಆಶೆಂ ತಿ ಸಾಂಬಾಳ್ನ್ ಮುಕಾರ್ ವ್ಹರಿಜಾಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಮ್ಹಜಿ ಆಶಾ.

ಮಾ. ಬಾ. ಮೈಕಲ್ ಸಾಂತುಮಾಯೊರ್, ಪ್ರಾಂಶುಪಾಲ್, ಮಿಲಾರ್ ಕೊಲೆಜ್, ಮಂಗ್ಳುರ್ ತಾಂಚ್ಯಾ ಯಾಜಕೀ ಜಿಣ್ಯೆಚ್ಯಾ ರುಪ್ಯೋತ್ಸವಾಚ್ಯಾ ಸುವಾಳ್ಯಾರ್ "ಕೆನರಾ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ವೊವಿಯೊ" ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಪುಸ್ತಕ್ ಉಗ್ತಾವಣಾಕ್ ಹಾಡ್ತಾ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಗಜಾಲ್ ಸಂತೊಸಾಚಿ. ಹೆಂ ಪುಸ್ತಕ್ ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತೆಕ್ ಎಕ್ ಅಧಾರ್ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ಜಾತೆಲೆಂ.

ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ಸಂಶೋಧನ್ ಕರ್ನ್ ಹೊ ಪುಸ್ತಕ್ ತಯಾರ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ತಾಂಕಾಂ ಮ್ಹಜೆ ಉಲ್ಲಾಸ್. ಹ್ಯಾ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚೆ ಚಡಿತ್ ಜಾಣ್ವಾಯ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಸಮಾಜೆಕ್ ತಶೆಂ ಯುವಜಣಾಂಕ್ ಲಾಭೊಂ ಆನಿ ಹಿ ಬರಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಪಿಳ್ಗೆಕ್ ಹಸ್ತಾಂತರ್ ಜಾಂವ್ ಮ್ಹಣ್ ಮ್ಹಜಿ ಆಶಾ.

+ [signature]

02-03-2020
ಸಾಂ. ಜುಜೆಚಿ ಸೆಮಿನರಿ, ಜೆಪ್ಪು

ಅ. ಮಾ. ದೊ. ಲುವಿಸ್ ಪಾವ್ಲ್ ಸೋಜ್
ಮಂಗ್ಳುರ್ ದಿಯೆಸೆಜಿಚೊ ನಿವೃತ್ತ್ ಬಿಸ್ಪ್

संदेश

खंचीय एक भास, संसकृती दिसा दिस्पडतें वापारन जिवाळ दवरिनांव तवळ ती भास वा संसकृती आळवोन वेता. आमच्या कोंकणी कातोलीक समाजेच्या काजारां सोभाणानीं देंवोन आयिल्ली वोवियांची संपरदाय एक अर्थाभरीत आनी अपुरबायेची रिवाज. वोवियो वेर्साक आमच्या समाजेंत एक विशिषट स्थान आसा. पुर्वजां थावन वाळोन आयिल्ली ही संपरदाय आजून जिवी आसा तरी जायित्या काजारानीं हाचो महत्व उणो जाला.

मानाधीक बाप. मैकल सांतुमायोरानीं तांचा याजकी दीक्षेचा रुप्याळा संभ्रमा संदर्भार, आपल्या संशोधनां सवें पर्गटचो केनरा कातोलीक काजारांनी वोवियो म्हळ्ळो संशोधीक पुसतक एक वर्तें देणें जावंक पावतलो. ह्या बुकांतले विवरण आदल्या काळाचो तो रोसा काजारांचो भरम आनी ग्रेसतकाय जिवो करताल. बाप मैकलाचो हो संशोध वावर होगळिकेक फावो जाल्लो.

कोंकणी संसकृतिचें दिर्वें ऊर्जीत करुंक, एकटांय केल्ल्यो ह्यो वोवियो आनी फुडल्या पिळगेक पावंवच्याक आसा केल्लें हें पुसतक एक जाण्वायेचें भंडार आनी सांकोव जांव म्हण हांव आशेतां.

मार्च ०३, २०२०

मिलार मायेची फिर्गज, मंगळूर

बाप जोसेफ जेरालड लोबो

विगार – मिलार फिर्गज

ಸಂದೇಶ್

ಖಂಚೆಯ್ ಏಕ್ ಭಾಸ್, ಸಂಸ್ಕೃತಿ ದಿಸಾ ದಿಸ್ಪಡ್ತೆಂ ವಾಪಾರ್ನ್ ಜಿವಾಳ್ ದವ್ರಿನಾಂವ್ ತವಳ್ ತಿ ಭಾಸ್ ವಾ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಆಳ್ಡೊನ್ ವೆತಾ. ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಸಮಾಜೆಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಂ ಸೊಭಾಣಾನಿಂ ದೆಂವೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲಿ ವೊವಿಯಾಂಚಿ ಸಂಪ್ರದಾಯ್ ಏಕ್ ಅರ್ಥಾಭರಿತ್ ಆನಿ ಅಪುರ್ಬಾಯೆಚಿ ರಿವಾಜ್. ವೊವಿಯೊ ವೇಸ್ರಾಕ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಸಮಾಜೆಂತ್ ಏಕ್ ವಿಶಿಷ್ಟ್ ಸ್ಥಾನ್ ಆಸಾ. ಪುರ್ವಜಾಂ ಥಾವ್ನ್ ವಾಳೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲಿ ಹಿ ಸಂಪ್ರದಾಯ್ ಆಜೂನ್ ಜಿವಿ ಆಸಾ ತರೀ ಜಾಯಿತ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾನಿಂ ಹಾಚೊ ಮಹತ್ವ್ ಉಣೊ ಜಾಲಾ.

ಮಾನಾಧಿಕ್ ಬಾಪ್. ಮೈಕಲ್ ಸಾಂತುಮಾಯೊರಾನಿಂ ತಾಂಚಾ ಯಾಜಕೀ ದೀಕ್ಷೆಚಾ ರುಪ್ಯಾಳಾ ಸಂಭ್ರಮಾ ಸಂದರ್ಭಾರ್, ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಸಂಶೋಧನಾಂ ಸವೆಂ ಪರ್ಗಟ್ಚೊ "ಕೆನರಾ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ವೊವಿಯೊ" ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಸಂಶೋಧಿಕ್ ಪುಸ್ತಕ್ ಏಕ್ ವರ್ತೆಂ ದೆಣೆಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪಾವ್ತಲೊ. ಹ್ಯಾ ಬುಕಾಂತ್ಲೆ ವಿವರಣ್ ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾಚೊ ತೊ ರೊಸಾ ಕಾಜಾರಾಂಚೊ ಭರಮ್ ಆನಿ ಗ್ರೇಸ್ತ್‌ಕಾಯ್ ಜಿವೊ ಕರ್ತಾ. ಬಾಪ್ ಮೈಕಲಾಚೊ ಹೊ ಸಂಶೋಧ್ ವಾವ್ರ್ ಹೊಗ್ಳಿಕೆಕ್ ಫಾವೊ ಜಾಲ್ಲೊ.

ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚೆಂ ದಿರ್ವೆಂ ಊರ್ಜಿತ್ ಕರುಂಕ್, ಎಕ್ಪಾಂಯ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯೊ ಹ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಆನಿ ಫುಡ್ಲ್ಯಾ ಪಿಳ್ಗೆಕ್ ಪಾವಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ಆಸಾ ಕೆಲ್ಲೆಂ ಹೆಂ ಪುಸ್ತಕ್ ಏಕ್ ಜಾಣ್ವಾಯೆಚೆಂ ಭಂಡಾರ್ ಆನಿ ಸಾಂಕೊವ್ ಜಾಂವ್ ಮ್ಹಣ್ ಹಾಂವ್ ಆಶೆತಾಂ.

ಮಾರ್ಚ್ 03, 2020
ಮಿಲಾರ್ ಮಾಯೆಚಿ ಫಿರ್ಗಜ್, ಮಂಗ್ಳುರ್

ಬಾಪ್ ಜೋಸೆಫ್ ಜೆರಾಲ್ಡ್ ಲೋಬೊ
ವಿಗಾರ್ - ಮಿಲಾರ್ ಫಿರ್ಗಜ್

केनरा कथोलीक काजारांनी वोवियो



खंयचीय भास एका जनांगाथावन अन्येका जनांगापरयांत जिवाळ उराजय तर त्या भाशेची संसकृती तशेंच साहित्य महत्वाचो पात्र घेता. १९१२ इसवेंत सुरू जाल्ल्या 'कोंकण दिरवें' पतराच्या काळाथावन कन्नड लिपियेंतल्या कोंकणी साहित्याचें इतिहास अजीक शेंभोर आनी आट वरसाथलें. आनी ह्या आवदेंत कोंकणी भास, कोंकणी सब्धकोश, कोंकणी संसोद केल्लीं पुसतकां भोव थोडीं. ज्या मापान हेर प्रकाराचें साहित्य; काणियो, कादंबरी, कविता, वेवेगळ्या प्रकाराच्या लेखनांचें बूक प्रकाशीत जाल्लेपरीं कोंकणी अध्ययनां, संसोद करून प्रकाशीत केल्लीं पुसतकां भोव थोडीं. आनी हें पुसतक त्या भोव थोड्या विंचणार पुसतकांच्या मेळिंत अपलेंच म्हळ्ळें स्थान आपणायता म्हणच्यांत दुसरें उतर ना.

माबामायकल सांतुमायोरासवें अजीक ३६ वरसाथीं म्हजी सळावळ जाल्लीच कोंकणिवरवीं, कोंकणी खातीर. कोंकणी भासेचेर, संसोधाचेर, अध्ययाचेर तांकां विशेस उमेद आसली. आनी ती उमेद फकत युवपरायेची न्हय. आतां मंगळुरच्या मिलाग्रीस कोलेज तसल्या एका प्रतिश्टीत कोलेजिचे ते प्रिन्सिपाल तरयी, जायती मिनत करून, जायतो वेळ खरचून केनरा कोंकणी कथोलिकांच्या काजरांनी 'वोवियो' प्रकाराचेर ताणीं केल्ल्या संशोदनाचें फळ जावन कोंकणी समाजेक एक अपुर्भायेचें पुसतक ते आपल्या याजकी भेस जोडल्ल्या पंचवीस वरसाच्या संभ्रमावेळार काणीक दितात आनी खंडीत जावन फुडारांत कोंकणी संशोद, अध्ययन करपिंक एक भोव उपकाराक पडचें पुसतक जातेलें म्हणच्यांत कसलोच दुभाव ना.

'वोवियो' पुरवजांनी हें भोव जतनेन सांभाळून दवरल्लें दायज, मवकीक प्रकाराराचें साहित्य आतां हें लिखीत रूप घेवन बुकारुपार येता. कर्नाटकांत कोंकणी साहित्य अकाडेमी आसा, मंगळूर विश्वविध्यानिलयांत कोंकणी अध्ययन पीठ आसा. तशेंच धारवाडांतल्या कर्नाटक विश्वविध्यानिलयांत सयत कोंकणी अध्ययन पीठाचें स्थापन जालें. हांच्या मुखेलपणाखाल असलें संशोद, अध्ययन केल्लें साहित्य फुडें डिजिटल रुपार आयलें तर हें विंचणार साहित्य कोंकणिच्या हेर लिपिंच्या, हेर बोलिंच्या लोकांक समजुंक सलीस जातेलें म्हळ्ळो म्हजो आशावाद.

– वल्ली क्वाड्रस, अजेकार

संपादक, कोंकणगार प्रकाशन

१५ मार्च २०२०

ಕೆನರಾ ಕಥೊಲಿಕ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ವೊವಿಯೊ

ಖಂಚೆಯ್ ಭಾಸ್ ಏಕಾ ಜನಾಂಗಾಥಾವ್ನ್ ಅನ್ಯೇಕಾ ಜನಾಂಗಾಪರ್ಯಾಂತ್ ಜಿವಾಳ್ ಉರಾಜಯ್ ತರ್ ತ್ಯಾ ಭಾಶೆಚಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ತಶೆಂಚ್ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ಮಹತ್ವಾಚೊ ಪಾತ್ ಘೆತಾ. 1912 ಇಸ್ವೆಂತ್ ಸುರು ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ 'ಕೊಂಕಣ್ ದಿರ್ವೆಂ' ಪತ್ರಾಚ್ಯಾ ಕಾಳಾಥಾವ್ನ್ ಕನ್ನಡ ಲಿಪಿಯೆಂತ್ಲ್ಯಾ ಕೊಂಕಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯಾಚೆಂ ಇತಿಹಾಸ್ ಅಜಿಕ್ ಶೆಂಭೊರ್ ಆನಿ ಆಟ್ ವರ್ಸಾಂಚೆಂ. ಆನಿ ಹ್ಯಾ ಅವ್ದೆಂತ್ ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಸ್, ಕೊಂಕಣಿ ಸಬ್ದ್‌ಕೋಶ್, ಕೊಂಕಣಿ ಸಂಸೋದ್ ಕೆಲ್ಲಿಂ ಪುಸ್ತಕಾಂ ಭೋವ್ ಥೊಡಿಂ. ಜ್ಯಾ ಮಾಪಾನ್ ಹೆರ್ ಪ್ರಕಾರಾಚೆಂ ಸಾಹಿತ್ಯ್; ಕಾಣಿಯೊ, ಕಾದಂಬರಿ, ಕವಿತಾ, ವೆವೆಗ್ಳ್ಯಾ ಪ್ರಕಾರಾಚ್ಯಾ ಲೇಖನಾಂಚಿಂ ಪುಸ್ತಕಾಂ ಪ್ರಕಾಶಿತ್ ಜಾಲ್ಲೆಪರಿಂ ಕೊಂಕಣಿ ಅಧ್ಯಯನಾಂ, ಸಂಸೋದ್ ಕರುನ್ ಪ್ರಕಾಶಿತ್ ಕೆಲ್ಲಿಂ ಪುಸ್ತಕಾಂ ಭೋವ್ ಥೊಡಿಂ. ಆನಿ ಹೆಂ ಪುಸ್ತಕ್ ತ್ಯಾ ಭೋವ್ ಥೊಡ್ಯಾ ವಿಂಚ್ಣಾರ್ ಪುಸ್ತಕಾಂಚ್ಯಾ ಮೆಳಾಂತ್ ಆಪ್ಲೆಂಚ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಸ್ಥಾನ್ ಆಪ್ಲಾಯ್ತಾ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾಂತ್ ದುಸ್ರೆಂ ಉತರ್ ನಾ.

ಮಾ| ಬಾ| ಮಾಯ್ಕಲ್ ಸಾಂತುಮಾಯೊರಾಸವೆಂ ಅಜೀಕ್ 36 ವರ್ಸಾಂಥಿಂ ಮ್ಹಜಿ ಸಳಾವಳ್ ಜಾಲ್ಲಿಚ್ ಕೊಂಕಣಿವರ್ವಿಂ, ಕೊಂಕಣಿ ಖಾತಿರ್. ಕೊಂಕಣಿ ಭಾಸೆಚೆರ್, ಸಂಸೋಧಾಚೆರ್, ಅಧ್ಯಯಾಚೆರ್ ತಾಂಕಾಂ ವಿಶೇಸ್ ಉಮೆದ್ ಆಸ್ಲಿ. ಆನಿ ತಿ ಉಮೆದ್ ಫಕತ್ ಯುವಪಣಾಯೆಚಿ ನ್ಹಯ್. ಆತಾಂ ಮಂಗ್ಳುರ್ಚ್ಯಾ ಮಿಲಾಗ್ರಿಸ್ ಕೊಲೇಜ್ ತಸಲ್ಯಾ ಏಕಾ ಪತಿಷ್ಠಿತ್ ಕೊಲೆಜಿಚೆ ತೆ ಪ್ರಿನ್ಸಿಪಾಲ್ ತರೀಯೀ, ಜಾಯ್ತೊ ಮಿನತ್ ಕರುನ್, ಜಾಯ್ತೊ ವೇಳ್ ಖರ್ಚುನ್ ಕೆನರಾ ಕೊಂಕಣಿ ಕಥೊಲಿಕಾಂಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಂನಿ 'ವೊವಿಯೊ' ಪ್ರಕಾರಾಚೆರ್ ತಾಣಿಂ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಸಂಶೋದನಾಚೆಂ ಫಳ್ ಜಾವ್ನ್ ಕೊಂಕಣಿ ಸಮಾಜೆಕ್ ಏಕ್ ಅಪ್ರುಭಾಯೆಚೆಂ ಪುಸ್ತಕ್ ತೆ ಅಪ್ಲ್ಯಾ ಯಾಜಕೀ ಫೆಸ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಪಂಚ್ವೀಸ್ ವರ್ಸಾಂಚ್ಯಾ ಸಂಭ್ರಮಾವೆಳಾರ್ ಕಾಣಿಕ್ ದಿತಾತ್ ಆನಿ ಖಂಡಿತ್ ಜಾವ್ನ್ ಫುಡಾರಾಂತ್ ಕೊಂಕಣಿ ಸಂಶೋದ್, ಅಧ್ಯಯನ್ ಕರ್ಚೆಂಕ್ ಏಕ್ ಭೋವ್ ಉಪ್ಕಾರಾಕ್ ಪಡ್ಚೆಂ ಪುಸ್ತಕ್ ಜಾತೆಲೆಂ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾಂತ್ ಕಸಲೊಚ್ ದುಭಾವ್ ನಾ.

'ವೊವಿಯೊ' ಪುರ್ವಜಾಂನಿ ಹೆಂ ಭೋವ್ ಜತನೆನ್ ಸಾಂಭಾಳುನ್ ದವರ್‌ಲ್ಲೆಂ ದಾಯ್ಜ್. ಮಾಖಿಕ್ ಪ್ರಕಾರಾಚೆಂ ಸಾಹಿತ್ಯ್, ಆತಾಂ ಹೆಂ ಲಿಖಿತ್ ರೂಪ್ ಘೆವ್ನ್ ಬುಕಾರುಪಾರ್ ಯೆತಾ. ಕರ್ನಾಟಕಾಂತ್ ಕೊಂಕಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ಅಕಾಡೆಮಿ ಆಸಾ, ಮಂಗ್ಳುರ್ ವಿಶ್ವವಿದ್ಯಾನಿಲಯಾಂತ್ ಕೊಂಕಣಿ ಅಧ್ಯಯನ್ ಪೀಠ ಆಸಾ. ತಶೆಂಚ್ ಧಾರವಾಡಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಕರ್ನಾಟಕ್ ವಿಶ್ವವಿದ್ಯಾನಿಲಯಾಂತ್ ಸಯ್ತ್ ಕೊಂಕಣಿ ಅಧ್ಯಯನ್ ಪೀಠಾಚೆಂ ಸ್ಥಾಪನ್ ಜಾಲೆಂ. ಹಾಂಚ್ಯಾ ಮುಖೇಲ್‌ಪಣಾಖಾಲ್ ಆಸಲೆಂ ಸಂಶೋದ್, ಅಧ್ಯಯನ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ಫುಡೆಂ ಡಿಜಿಟಲ್ ರುಪಾರ್ ಆಯ್ಲೆಂ ತರ್ ಹೆಂ ವಿಂಚ್ಣಾರ್ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ಕೊಂಕಣಿಚ್ಯಾ ಹೆರ್ ಲಿಪಿಂಚ್ಯಾ, ಹೆರ್ ಬೊಲಿಂಚ್ಯಾ ಲೋಕಾಂಕ್ ಸಮ್ಜುಂಕ್ ಸಲೀಸ್ ಜಾತೆಲೆಂ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಮ್ಹಜೊ ಆಶಾವಾದ್.

– ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್, ಅಜೆಕಾರ್

ಸಂಪಾದಕ್, ಕೊಂಕಣ್‌ಗಾರ್ ಪ್ರಕಾಶನ್

15 ಮಾರ್ಚ್ 2020

मांडावळ

अध्याय	भाग	विषय	पान
		सुर्विलें उतर	14
		अभार	18
१		कोंकणी संसकृती	20
	१.१	संसकृती म्हळ्यार कितें?	20
	१.२	वोवियांची चरित्रा आनी लोकवेद साहित्य	22
२		वोवियो म्हळ्यार कितें?	26
	२.१	वोवियो म्हणची रीत	26
३		केनरांत कातोलीक वोवियां संसकृती	30
४		संशोधाची गर्ज आनी उद्देश	32
	४.१	संशोधीक पुसतकाचो उद्देश	32
	४.२	संशोधीक सोदनां करुंक वापारल्लीं विधानां	34
५		संदर्भातेकीद वापार जांवच्यो वोवियो	36
	५.१	माटोव घाल्ताना	36
	५.२	सांबार काडताना, उजो कर्ताना आनी भाजताना	38
	५.३	पेटिचो तांदूळ काडताना	40
	५.४	शीत करुंक आदान दवर्ताना	40
	५.५	माटवांत वोजीं येताना	42
	५.६	माटवांत रांदाप कर्ताना	42
	५.७	रोस काडताना	44
	५.८	रोसाक बसयताना	44
	५.९	कानीं–ताळवेक तेल घाल्ताना	46
	५.१०	रोस पुसताना	48
	५.११	न्हावंक वेताना	70
	५.१२	रेस्पेराक भायर सर्ताना	70
	५.१३	साडो भर्ताना	72
	५.१४	वोर भितर घेताना	76
	५.१५	साडो न्हेसयताना	76
	५.१६	पुलां माळताना	86
	५.१७	भांगार घाल्ताना	88
	५.१८	सोव्यार बसताना	90
	५.१९	आयेर कर्ताना वोवियो	92
६.		विषयावार वापार जांवच्यो वोवियो	94
	६.१	भावाडताक लागू जाल्ल्यो वोवियो	96
	६.२	होकलेक उद्देसून वोवियो	96
	६.३	होरेताक उद्देसून वोवियो	98
	६.४	व्हडिलांक उद्देसून वोवियो	98
	६.५	बूदबाळ सांगून वोवियो	100

ಮಾಂಡಾವಳ್

ಅಧ್ಯಾಯ್	ಭಾಗ್	ವಿಷಯ್	ಪಾನ್
		ಸುರ್ವೆಲೆಂ ಉತರ್	15
		ಆಭಾರ್	19
1		ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ	21
	1.1	ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ?	21
	1.2	ವೊವಿಯಾಂಚಿ ಚರಿತ್ರಾ ಆನಿ ಲೋಕ್‌ವೇದ್ ಸಾಹಿತ್ಯ್	23
2		ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ?	27
	2.1	ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚಿ ರೀತ್	27
3		ಕೆನರಾಂತ್ ಕಾತೋಲಿಕ್ ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿ	31
4		ಸಂಶೋಧಾಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆನಿ ಉದ್ದೇಶ್	33
	4.1	ಸಂಶೋಧಿಕ್ ಪುಸ್ತಕಾಚೊ ಉದ್ದೇಶ್	33
	4.2	ಸಂಶೋಧಿಕ್ ಸೊಧ್ನಾಂ ಕರುಂಕ್ ವಾಪಾರ್‌ಲ್ಲಿಂ ವಿಧಾನಾಂ	35
5		ಸಂದರ್ಭಾಂತೆಕಿದ್ ವಾಪಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ	37
	5.1	ಮಾಟೊವ್ ಘಾಲ್ತಾನಾ	37
	5.2	ಸಾಂಬಾರ್ ಕಾಡ್ತಾನಾ, ಉಜೊ ಕರ್ತಾನಾ ಆನಿ ಭಾಜ್ತಾನಾ	39
	5.3	ಪೆಟಿಚೊ ತಾಂದುಳ್ ಕಾಡ್ತಾನಾ	41
	5.4	ಶಿತ್ ಕರುಂಕ್ ಆದಾನ್ ದವರ್ತಾನಾ	41
	5.5	ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ವೊಜೆಂ ಯೆತಾನಾ	43
	5.6	ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ರಾಂದಾಪ್ ಕರ್ತಾನಾ	43
	5.7	ರೋಸ್ ಕಾಡ್ತಾನಾ	45
	5.8	ರೊಸಾಕ್ ಬಸಯ್ತಾನಾ	45
	5.9	ಕಾನಿಂ-ತಾಳ್ವೆಕ್ ತೇಲ್ ಘಾಲ್ತಾನಾ	47
	5.10	ರೋಸ್ ಪುಸ್ತಾನಾ	49
	5.11	ನ್ಹಾಂವ್ಕ್ ವೆತಾನಾ	71
	5.12	ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ತಾನಾ	71
	5.13	ಸಾಡೊ ಭರ್ತಾನಾ	73
	5.14	ವ್ಹೊರ್ ಭಿತರ್ ಘೆತಾನಾ	77
	5.15	ಸಾಡೊ ನ್ಹೆಸಯ್ತಾನಾ	77
	5.16	ಫುಲಾಂ ಮಾಳ್ತಾನಾ	87
	5.17	ಭಾಂಗಾರ್ ಘಾಲ್ತಾನಾ	89
	5.18	ಸೊವ್ಯಾರ್ ಬಸ್ತಾನಾ	91
	5.19	ಆಯೆರ್ ಕರ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ	93
6		ವಿಷಯಾವಾರ್ ವಾಪಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ	95
	6.1	ಭಾವಾಡ್ತಾಕ್ ಲಾಗು ಜಾಲ್ಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ	97
	6.2	ಹೊರ್ಕೆಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊವಿಯೊ	97
	6.3	ಹೊರೆತಾಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊವಿಯೊ	99
	6.4	ವ್ಹಡಿಲಾಂಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊವಿಯೊ	99
	6.5	ಬೂದ್‌ಬಾಳ್ ಸಾಂಗುನ್ ವೊವಿಯೊ	101

	६.६	देवाधीन जाल्ल्यांपासत वोवियो	102
	६.७	सयऱ्यां दयऱ्यांक, दायजांक, कुटमाच्यांक उद्देसून वोवियो	102
	६.८	धार्मीक व्यक्तिंक उद्देसून वोवियो	104
	६.९	तमाशे कर्च्याक वोवियो	106
	६.१०	बरें मागच्यो, शुभाशय दिंवच्यो वोवियो	106
	६.११	दुखंवच्यो–आक्मान–खोडी काडच्यो वोवियो	108
	६.१२	पर्गांवांत आसल्ल्यां पासत वोवियो	108
	६.१३	सेजाराविशीं वोवियो	110
	६.१४	कुटमा जीवनाक वोवियो	110
	६.१५	सामाजीक परिगत कळोंवच्यो वोवियो	112
	६.१६	आर्थीक परिस्थिती आनी वोवियो	114
	६.१७	इतिहासांतल्या घडितां विषयांतल्यो वोवियो	114
	६.१८	हेर भाशेंचे सब्द वापारल्ल्यो वोवियो	114
	६.१९	विकार वोवियो आनी आर्थ नातल्ल्यो वोवियो	116
	६.२०	नितळ वोवियां संसकृतिंत पोजडेपण	118
	६.२१	वोवियांच्या सब्द, रूप आनी आर्थांत बदलावण	118
	६.२२	वोवियांनी सोरो	118
	६.२३	वोवियांनी संबंध रूपीत सब्दावळ	120
७		वोवियांनी संदेश	126
८		वोवी पंताट (गायिल्ल्यावोवियेक जवाब जावन वोवी)	134
९		जमयिल्ल्यो नव्यो वोवियो	140
१०		वोवियां संसकृतिविशीं जाणत्या आनी मालघड्यांचो अभिपराय	144
	१०.१	मो. डेनीस मोरास प्रभू	144
	१०.२	बा. प्रताप नायक जे.स.	144
	१०.३	श्री रोय क्यासतेलिनो	148
	१०.४	श्रीमती ऐरीन रेबेल्लो	148
	१०.५	श्री आडी रेगो	150
	१०.६	श्री विकटर लोबो	150
	१०.७	श्रीमती फ्लोरीन सिकवेरा	152
	१०.८	वोवियो म्हणच्या रितिंत तफावत	152
११		वोवियां संसकृतिविशीं समीक्षा आनी विशलेषण	158
१२		वोवियां संसकृतिची प्रसतूत परिगत	176
१३		संशोधीक सोदनां	182
१४		फुडार	184
		संपवणी	188
		आधार ग्रंथ	190

	6.6	ದೆವಾಧಿನ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾಂಪಾಸತ್ ವೊವಿಯೊ	103
	6.7	ಸಯ್ರ್ಯಾಂ ದಯ್ರ್ಯಾಂಕ್, ದಾಯ್ಜಾಂಕ್, ಕುಟ್ಮಾಚ್ಯಾಂಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊವಿಯೊ	103
	6.8	ಧಾರ್ಮಿಕ್ ವ್ಯಕ್ತಿಂಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊವಿಯೊ	105
	6.9	ತಮಾಶೆ ಕರ್ಚ್ಯಾಕ್ ವೊವಿಯೊ	107
	6.10	ಬರೆಂ ಮಾಗ್ಚ್ಯಾ, ಶುಭಾಶಯ್ ದಿಂವ್ಚ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ	107
	6.11	ದುಖಿಂವ್ಚ್ಯಾ-ಅಕ್ಮಾನ್-ಖೊಡಿ ಕಾಡ್ಚ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ	109
	6.12	ಪರ್ಗಾಂವಾಂತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂ ಪಾಸತ್ ವೊವಿಯೊ	109
	6.13	ಸೆಜಾರಾವಿಶಿಂ ವೊವಿಯೊ	111
	6.14	ಕುಟ್ಮಾ ಜೀವನಾಕ್ ವೊವಿಯೊ	111
	6.15	ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಪರಿಗತ್ ಕಳೊಂವ್ಚ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ	113
	6.16	ಆರ್ಥಿಕ್ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಆನಿ ವೊವಿಯೊ	115
	6.17	ಇತಿಹಾಸಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಘಡಿತಾಂ ಪಿಶ್ಟಾಂತ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ	115
	6.18	ಹೆರ್ ಭಾಶೆಂಚೆ ಸಬ್ದ್ ವಾಪಾರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ	115
	6.19	ಪಿಕಾರ್ ವೊವಿಯೊ ಆನಿ ಆರ್ಥ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ	117
	6.20	ಸಿತಳ್ ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿಂತ್ ಪೊಜ್ಜೆಪಣ್	119
	6.21	ವೊವಿಯಾಂಚ್ಯಾ ಸಬ್ದ್, ರೂಪ್ ಆನಿ ಆರ್ಥಾಂತ್ ಬದ್ಲಾವಣ್ ..	119
	6.22	ವೊವಿಯಾಂನಿ ಸೊರೊ	119
	6.23	ವೊವಿಯಾಂನಿ ಸಂಬಂಧ್ ರೂಪಿತ್ ಸಬ್ದಾವಳ್	121
7		ವೊವಿಯಾಂನಿ ಸಂದೇಶ್	127
8		ವೊವಿ ಪಂತಾಟ್ (ಗಾಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೆಕ್ ಜವಾಬ್ ಜಾವ್ನ್ ವೊವಿ)..	135
9		ಜಮಯಿಲ್ಲ್ಯೊ ನವ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ	141
10		ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿವಿಶಿಂ ಜಾಣ್ಟ್ಯಾ ಆನಿ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಚೊ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್	145
	10.1	ಮೊ. ಡೆನಿಸ್ ಮೊರಾಸ್ ಪ್ರಭು	145
	10.2	ಬಾ. ಪ್ರತಾಪ್ ನಾಯ್ಕ್ ಜೆ.ಸ.	145
	10.3	ಶ್ರೀ ರೊಯ್ ಕ್ಯಾಸ್ತೆಲಿನೊ	149
	10.4	ಶ್ರೀಮತಿ ಐರಿನ್ ರೆಬೆಲ್ಲೊ	149
	10.5	ಶ್ರೀ ಆಡಿ ರೇಗೊ	151
	10.6	ಶ್ರೀ ವಿಕ್ಟರ್ ಲೋಬೊ	151
	10.7	ಶ್ರೀಮತಿ ಫ್ಲೋರಿನ್ ಸಿಕ್ವೇರಾ	153
	10.8	ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾ ರಿತಿಂತ್ ತಫಾವತ್	153
11		ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿವಿಶಿಂ ಸಮೀಕ್ಷಾ ಆನಿ ವಿಶ್ಲೇಷಣ್	159
12		ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚಿ ಪ್ರಸ್ತುತ್ ಪರಿಗತ್	177
13		ಸಂಶೋಧಿಕ್ ಸೊದ್ನಾಂ	183
14		ಫುಡಾರ್	185
		ಸಂಪಷ್ಟಿ	189
		ಆಧಾರ್ ಗ್ರಂಥ್	191

सुर्विलें उतर

उत्तर भारतांत जमल्लो कोंकणी लोक क्रमेण कारणांतर पयण कर्न सगळ्या कोंकण पट्टीर विसतारले?. ह्या कोंकण्यानी आपल्या जिण्येच्या गोड आनी कोडू घडितांक तांच्या कुडिंत जिरवन, मतिंत वरवन, काळजाच्या गुंडाये थावन उमाळल्लीं भोगणांच लोकवेद तोंडी साहित्य.

केनरा कोंकणी कातोलीक समुदायाच्या संसकृतेंत आदीं थावन गायानाक एक विशेष स्थान आसा. गायान आमच्या थरावळ कार्‍यांक सोभाय आनी अर्थ दिता. लग्ना सोबाण कार्‍यांनी वोवियो वेर्स प्रधान अकरषण जावन कार्‍याची सोभाय चडयतातआनी कोंकणी संसकृतेची ग्रेसतकाय उकलन धरतात. वोवियो कोंकणी संसकृतेच्या अपूर्व तशें खाशेल्या दायजांतलीं भोव मोलाधीक मोतियां जावन अजून पर्जळोन आसात आनी कोंकणी संसकृतेची ग्रेसतकाय पाचारून आसात. ह्या मुकांत्र कोंकणी क्रिसतांव काजार–सोबाणांक वोवियो वेर्स सोभाय जावनासात.

वोवियो वेर्स कोंकणी लोकवेदाचो आनी संसकृतिचो मुळावो दाखलो. आदीं थावन ही संसकृती अमच्या मालघड्यांनी तोंडपाशीं घडून, गावन, अजून पर्‍यांत सांबाळन अमकां पावयल्या. आदल्या काळार कोंकणी काजारांनी सांपरदायीक आनी सांसकृतीक महत्व चडीत मापान दिसोन येतालो. देकून गोंयच्या आनी मंगळूरच्यास सांपरदायीक कोंकणी काजारांनी वोवियो वेर्साचो पुषकळ उप्योग जातालो.

आदीं कातोलीक कोंकणी काजाराचो संभ्रम हप्तोबर लांबतालो. माटव घाल्चे थावन रेसो, रोस आनी काजार म्हणोन पर्तापणांत संभ्रम संप्तालो. ह्या सर्व कार्‍यांनी सांसकृतीक महत्व उटोन दिसतालो. काजाराच्या दिसांनी कुटमाचीं मालघडीं सगळीं सांगाता मेळोन वोवियो वेर्सा मुकांत्र होकले नोवर्‍याक कांय इल्ली बूदबाळ सांगोंक, तांची प्रशंसा करुंक वा इल्ले तमाशे करुंक प्रयत्न कर्तालीं. त्या त्या संदर्भाक सरी जावन वोवियो रचून, ताळो बसवन, त्यो गायान करचें सांसकृतीक देणें आमच्या मालघड्यांक आसल्लें म्हळ्ळें आमकां स्पषट जाता. वोवियां मुकांत्र आमच्या मालघड्यांची, सांसकृतीक ग्रेसतकायेसंगीं, अर्थीक, सामाजीक आनी धार्मीक जिण्यिची लागशिल्यान झळक आनी समजणी लाभता.

पूण केनराच्या अजकाल्च्या कातोलीक क्रिसतांवांच्या काजारांनी पारंपरीक रिती रिवाजी मोडून प्रादेशीक संपरदाय सोडून, नाटकीय, यांत्रीक, पर्देशी संसकृतिचो नकल कर्न, आजकाल वोवियो वेर्साचो जागो कार्‍यनिर्वहण, खेळ, संगीत, नाच आनी मर्जेन गीळन सोडलाशें दिसता.

पूण आज भाड्याक मनश्यांक हाडून, कोवळी वा सिडी वापार्न, पुसतकां पळेवन वा हेर भासांचे विवीध सब्द विंचून संसकृती पाळिजाय म्हळ्ळ्या खातीर नांवा तेकीद

ಸುರ್ವಿಲೆಂ ಉತರ್

ಉತ್ತರ್ ಭಾರತಾಂತ್ ಜಮ್ಲ್ಲೊ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೋಕ್ ಕ್ರಮೇಣ್ ಕಾರಣಾಂತರ್ ಪಯ್ಣ್ ಕರ್ನ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಕೊಂಕಣ್ ಪಟ್ಟಿರ್ ಪಿಸಾರ್ಲೆ. ಹ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣ್ಯಾನಿ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆಚ್ಯಾ ಗೋಡ್ ಆನಿ ಕೊಡು ಘಡಿತಾಂಕ್ ತಾಂಚ್ಯಾ ಕುಡಿಂತ್ ಜಿರವ್ನ್, ಮತಿಂತ್ ವರವ್ನ್, ಕಾಳ್ಜಾಚ್ಯಾ ಗುಂಡಾಯೆ ಥಾವ್ನ್ ಉಮಾಳ್ಳಿಂ ಭೊಗ್ಣಾಂಚ್ ಲೊಕ್ವೆದ್ ತೊಂಡಿ ಸಾಹಿತ್ಯ್.

ಕೆನರಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಸಮುದಾಯಾಚ್ಯಾ ಸಂಸ್ಕೃತೆಂತ್ ಆದಿಂ ಥಾವ್ನ್ ಗಾಯಾನಾಕ್ ಎಕ್ ವಿಶೇಷ್ ಸ್ಥಾನ್ ಆಸಾ. ಗಾಯಾನ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾವಳ್ ಕಾರ್ಯಾಂಕ್ ಸೊಭಾಯ್ ಆನಿ ಅರ್ಥ್ ದಿತಾ. ಲಗ್ನಾ ಸೊಬಾಣ್ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ವೊಪಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ಪ್ರಧಾನ್ ಆಕರ್ಷಣ್ ಜಾವ್ನ್ ಕಾರ್ಯಾಚಿ ಸೊಭಾಯ್ ಚಡಯ್ತಾತ್ ಆನಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚಿ ಗೇಸ್ತಾಯ್ ಉಕಲ್ನ್ ಧರ್ತಾತ್. ವೊಪಿಯೊ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚ್ಯಾ ಅಪೂರ್ವ್ ತಶೆಂ ಖಾಶೆಲ್ಯಾ ದಾಯ್ಜಾಂತ್ಲಿಂ ಘೋವ್ ಮೊಲಾಧಿಕ್ ಮೊತಿಯಾಂ ಜಾವ್ನ್ ಅಜೂನ್ ಪರ್ಜಳೊನ್ ಆಸಾತ್ ಆನಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚಿ ಗೇಸ್ತಾಯ್ ಪಾಚಾರುನ್ ಆಸಾತ್. ಹ್ಯಾ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಿಸ್ತಾಂವ್ ಕಾಜಾರ್-ಸೊಬಾಣಾಂಕ್ ವೊಪಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ಸೊಭಾಯ್ ಜಾವ್ನಾಸಾತ್.

ವೊಪಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೊಕ್ವೆದಾಚೊ ಆನಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚೊ ಮುಳಾವೊ ದಾಯ್ಜೊ. ಆದಿಂ ಥಾವ್ನ್ ಹಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂನಿ ತೊಂಡಾಳಿಂ ಘಡುನ್, ಗಾವ್ನ್, ಅಜೂನ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಸಾಂಬಾಳ್ನ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಪಾವಯ್ಲ್ಯಾ. ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ಸಾಂಪ್ರದಾಯಿಕ್ ಆನಿ ಸಾಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ಮಹತ್ವ್ ಚಡಿತ್ ಮಾಪಾನ್ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾಲೊ. ದೆಕುನ್ ಗೊಂಯ್ಚ್ಯಾ ಆನಿ ಮಂಗ್ಳುರ್ಚ್ಯಾ ಸಾಂಪ್ರದಾಯಿಕ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ವೊಪಿಯೊ ವೇರ್ಸಾಂಚೊ ಪ್ರುಸ್ಕಳ್ ಉಪ್ಯೋಗ್ ಜಾತಾಲೊ.

ಆದಿಂ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾಜಾರಾಚೊ ಸಂಭ್ರಮ್ ಹಫ್ತ್ಯಾಬರ್ ಲಾಂಬಾತಾಲೊ. ಮಾಟವ್ ಘಾಲ್ಚೆ ಥಾವ್ನ್ ರೆಸ್ಪೊ, ರೋಸ್ ಆನಿ ಕಾಜಾರ್ ಮ್ಹಣ್ತೊನ್ ಪರ್ತಾಪಣಾಂತ್ ಸಂಭ್ರಮ್ ಸಂಪ್ತಾಲೊ. ಹ್ಯಾ ಸರ್ವ್ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ಸಾಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ಮಹತ್ವ್ ಉಟೊನ್ ದಿಸ್ತಾಲೊ. ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ದಿಸಾಂನಿ ಕುಟ್ಮಾಚಿಂ ಮಾಲ್ಘಡಿಂ ಸಗ್ಳಿಂ ಸಾಂಗಾತಾ ಮೆಳೊನ್ ವೊಪಿಯೊ ವೇರ್ಸಾಂ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಹೊಕ್ಲೆ ನೊವ್ರ್ಯಾಕ್ ಕಾಂಯ್ ಇಲ್ಲಿ ಬೂದ್ಬಾಳ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್, ತಾಂಚಿ ಪ್ರಶಂಸಾ ಕರುಂಕ್ ವಾ ಇಲ್ಲಿ ತಮಾಶ್ ಕರುಂಕ್ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರ್ತಾಲಿಂ. ತ್ಯಾ ತ್ಯಾ ಸಂದರ್ಭಾಕ್ ಸರಿ ಜಾವ್ನ್ ವೊಪಿಯೊ ರಚುನ್, ತಾಳೊ ಬಸವ್ನ್, ತೆ ಗಾಯಾನ್ ಕರ್ಚೆಂ ಸಾಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ದೆಣೆಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಕ್ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಸ್ಪಷ್ಟ್ ಜಾತಾ. ವೊಪಿಯಾಂ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಚಿ, ಸಾಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ಗೇಸ್ತಾಯೆಸಂಗಿಂ, ಆರ್ಥಿಕ್, ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಆನಿ ಧಾರ್ಮಿಕ್ ಜಿಣ್ಯೆಚೆ ಲಾಗ್ಶಿಲ್ಯಾನ್ ಝಳಕ್ ಆನಿ ಸಮ್ಜಣಿ ಲಾಭ್ತಾ.

ಪುಣ್ ಕೆನರಾಚ್ಯಾ ಅಜ್ಕಾಲ್ಚ್ಯಾ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವಾಂಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ಪಾರಂಪರಿಕ್ ರಿತಿ ರಿವಾಜಿ ಮೊಡುನ್ ಪ್ರಾದೇಶಿಕ್ ಸಂಪ್ರದಾಯ್ ಸೊಡುನ್, ನಾಟಕೀಯ್, ಯಾಂತ್ರಿಕ್, ಪರ್ದೇಶಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚೊ ನಕಲ್ ಕರ್ನ್, ಅಜ್ಕಾಲ್ ವೊಪಿಯೊ ವೇರ್ಸಾಂಚೊ ಜಾಗೊ ಕಾರ್ಯನಿರ್ವಹಣ್, ಖೆಳ್, ಸಂಗೀತ್, ನಾಚ್ ಆನಿ ಪರ್ಜೆನ್ ಗೀಳ್ನ್ ಸೊಡ್ಲಾಶೆಂ ದಿಸ್ತಾ.

ಪುಣ್ ಅಜ್ ಭಾಡ್ಯಾಕ್ ಮನ್ಶ್ಯಾಂಕ್ ಹಾಡುನ್, ಕೊಪಿ ವಾ ಸಿಡಿ ವಾಪಾರ್ನ್, ಪುಸ್ತಕಾಂ ಪಳೆವ್ನ್ ವಾ ಹೆರ್ ಭಾಸಾಂಚೆ ವಿವಿಧ್ ಸಬ್ದ್ ವಿಂಚುನ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಪಾಳಿಜಾಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ನಾಂವಾ ತೆಕಿದ್ ವೊಪಿಯಾಂಚೊ ವಾಪಾರ್ ಕರ್ಚೆಂ ಆಯ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಧಾರಾಳ್

वोवियांचो वापार कर्चें अयच्या काळार धाराळ मापान दिसता. ही प्रसतूत परिगत वोवियो म्हळ्ळ्या कोंकणी लोकवेद आनी कोंकणी संसकृतिच्या मूळ चिंत्पाक आनी उद्देशाक विरोध वेता. मालघड्यां थावन आमकां लाभल्लें हें संसकृतेचें दायज कशें ह्या काळारयी जिवाळ दवरयेधत आनी कशें मुकार वरयेत म्हळ्ळें ह्या पुसतकांत संशोधीक विधानान थोडें प्रयत्न केलां.

बरयणार

मा. बा. मैकल सांतुमायोर

जनन : १०-०४-१९६५, होस्पेट

याजकी दीक्षा : २५-०४-१९९५

शिकाप : तत्वशासत्र आनी देवशासत्र - सां जुजे सेमिनरी, जेप्पू
एं.ए अर्थशासत्र - मैसूर विश्वविद्यानिलय
एं.बी.ए. - सिक्कीं मणिपाल विश्वविद्यानिलय
एं.फील - डा. सी.वी. रामन विश्वविद्यानिलय, बिलासपूर.
एं.ए कोंकणी - मंगळूर विश्वविद्यानिलय
बी.एड - इंदिरा गांधी मुक्त विश्वविद्यानिलय, डेल्ली

याजकी सेवा : १९९५-२००० - सहायक विगार - बेळमण, रुजाय काथेद्रल आनी कल्याणपूर
२००१-२००३ - विगार, गंटालकट्टे आनी उपन्यासक, रुजाय पद्वेपूर्व कोलेज
२००४-२०१५ - प्रांशुपाल - पादुवा पद्वेपूर्व आनी पद्वे कोलेज
२०१५ थावन - प्रांशुपाल, मिलार कोलेज आनी निर्देशक मिलार विद्यासंस्थे, मंगळूर.

प्रसतूत विळास : मा. बा मैकल सांतुमायोर
प्रांशुपाल, मिलार कोलेज, मंगळूर - ५७५००१

मोबैल : ९८४५१६५३८२

ई-मैल : michaelsanthumayor@yahoo.co.in

ಮಾಪಾನ್ ದಿಸ್ತಾ. ಹಿ ಪ್ರಸ್ತುತ್ ಪರಗತ್ ವ್ಹೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಳ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೋಕ್‌ವೆದ್ ಆನಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚ್ಯಾ ಮೂಳ್ ಚಿಂತಾಕ್ ಆನಿ ಉದ್ದೇಶಾಕ್ ಪಿರೋಧ್ ವೆತಾ. ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಲಾಭ್‌ಲ್ಲೆಂ ಹೆಂ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚೆಂ ದಾಯ್ಜ್ ಕಶೆಂ ಹ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್‌ಯೀ ಜಿವಾಳ್ ದವರ್‍ತಾತ್ ಆನಿ ಕಶೆಂ ಮುಕಾರ್ ವರ್‍ತಾತ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಹ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಂತ್ ಸಂಶೋಧಿಕ್ ಪಿಧಾನಾನ್ ಥೊಡೆಂ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕೆಲಾಂ.

ಬರಯ್ಣಾರ್

ಮಾ. ಬಾ. ಮೈಕಲ್ ಸಾಂತುಮಾಯೋರ್

ಜನನ್ : 10–04–1965, ಝೊಸ್ಟೆಟ್

ಯಾಜಕೀ ದೀಕ್ಷಾ : 25–04–1995

ಶಿಕಾಪ್ : ತತ್ವ್‌ಶಾಸ್ತ್ ಆನಿ ದೇವ್‌ಶಾಸ್ತ್ – ಸಾಂ ಜುಜೆ ಸೆಮಿನರಿ, ಜೆಪ್ಪು
ಎಂ.ಎ ಅರ್ಥ್‌ಶಾಸ್ತ್ರ – ಮೈಸೂರ್ ವಿಶ್ವವಿದ್ಯಾನಿಲಯ್
ಎಂ.ಬಿ.ಎ. – ಸಿಕ್ಕಿಂ ಮಣಿಪಾಲ್ ವಿಶ್ವವಿದ್ಯಾನಿಲಯ್
ಎಂ.ಫಿಲ್– ಡಾ. ಸಿ.ವಿ. ರಾಮನ್ ವಿಶ್ವವಿದ್ಯಾನಿಲಯ್, ಬಿಲಾಸ್‌ಪುರ್.
ಎಂ.ಎ ಕೊಂಕಣಿ – ಮಂಗ್ಳುರ್ ವಿಶ್ವವಿದ್ಯಾನಿಲಯ್
ಬಿ.ಎಡ್–ಇಂದಿರಾ ಗಾಂಧಿ ಮುಕ್ತ್ ವಿಶ್ವವಿದ್ಯಾನಿಲಯ್, ದೆಲ್ಲಿ

ಯಾಜಕೀ ಸೆವಾ : 1995–2000 – ಸಹಾಯಕ್ ವಿಗಾರ್ – ಬೆಳ್ಮಣ್, ರುಜಾಯ್ ಕಾಥೆದ್ರಲ್ ಆನಿ ಕಲ್ಯಾಣ್ಪುರ್
2001–2003 – ವಿಗಾರ್, ಗಂಟಾಲ್‌ಕಟ್ಟೆ ಆನಿ ಉಪನ್ಯಾಸಕ್, ರುಜಾಯ್ ಪದ್ವೆಪೂರ್ವ್ ಕೊಲೆಜ್
2004–2015 – ಪ್ರಾಂಶುಪಾಲ್ – ಪಾದುವಾ ಪದ್ವೆಪೂರ್ವ್ ಆನಿ ಪದ್ವೆ ಕೊಲೆಜ್
2015 ಥಾವ್ನ್ – ಪ್ರಾಂಶುಪಾಲ್, ಮಿಲಾರ್ ಕೊಲೆಜ್ ಆನಿ ನಿರ್ದೇಶಕ್ ಮಿಲಾರ್ ವಿದ್ಯಾಸಂಸ್ಥೆ, ಮಂಗ್ಳುರ್.

ಪ್ರಸ್ತುತ್ ವಿಳಾಸ್ : ಮಾ. ಬಾ ಮೈಕಲ್ ಸಾಂತುಮಾಯೋರ್
ಪ್ರಾಂಶುಪಾಲ್, ಮಿಲಾರ್ ಕೊಲೆಜ್, ಮಂಗ್ಳುರ್ – 575001

ಮೊಬೈಲ್ : 9845165382

ಇ–ಮೈಲ್ : michaelsanthumayor@yahoo.co.in

अभार

ह्या म्हज्या **"केनरा कातोलीक काजारांनी वोवियो"** म्हळ्ळो संशोधीक पुसतक प्रगट करुंक अधार दिल्ल्यांक, संदर्शन दिल्ल्यांक, समीक्षा चलवंक अधार दिल्ल्यांक, गर्जे तेकीद जोक्ती माहेत दिल्ल्या मानेसत मानेसतिणिंचो आनी हेर सर्वांचो अभार मांदता.

ह्या म्हज्या संशोधीक वावराच्या अंकडे-सांकडे जमंवच्या प्रश्नावळीक पूरक जवाब दीवन सहकार दिल्ल्या मानेसत मानेसतिणिंक दिन्वास म्हणतां.

संदर्शना मुकांत्र माहेत आनी अभिपराय दीवन सहकार दिल्ल्या मो. डेनीस मोरास प्रभू, अदलो विगार जेराल, मंगळूर दियेसेज, बा. प्रताप नायक जे.स., गोंय, श्री रोय क्यासतेलिनो, अदलो आध्यक्ष, कर्नाटक कोंकणी साहित्य आकाडेमी, मंगळूर, श्रीमती ऐरीन रेबेल्लो, कुलशेकर, श्री आडी रेगो, बेंदूर, श्री विकटर लोबो, बजाल, श्रीमती फें?लीरीन सिकवेरा, कुलशेकर हांचो उपकार आटयतां.

तशेंच श्रीमती मागदेलीन आरान्हा, गंटालकट्टे, श्रीमती फेंलीरीन फेर्नांडीस, किन्निगोळी, श्रीमती एवलीन मोंतेरो, वामंजूर, श्री सिपरियन पिंटो, गंटालकट्टे, श्रीमती ग्रेट्टा आरान्हा, गंटालकट्टे, श्रीमती ग्रेसी लस्रादो, मूडबिद्री, श्री आलवीन मिनेजस, गंटालकट्टे, श्री सुनील मिरांदा, गंटालकट्टे, श्री जोन मोंतेरो, मिलार, श्रीमती लविना मोंतेरो, मिलार हांचोय उपकार भावुडतां.

ह्या म्हज्या पुसतकाक संदेश दिल्ल्या मंगळूर दियेसेजिचो निवृत्त बिस्प अ. मा. दो. लुवीस पावल सोज हांचो, प्रसतावन बरयिल्ल्या मिलार फिर्गजेचे विगार तशेंच मिलार विद्यासंस्थ्याचे संचालक मा. बा. जोसेफ लोबो हांचो अभार मांदतां.

पेंटोग्राफी आनी तांत्रीक सहाय ओदगसिल्ल्या श्री रेयसन पिंटो आनी कन्नडांत कंप्यूटर टैपिंग केल्ल्या श्रीमती क्यारल तावरो हांचो उपकार भावुडतां.

हें पुसतक नाजूक थरान छापून दिल्ल्या 'कोंकणगार प्रकाशन' तशेंच पुसतक ISBN संगीं तीन लिपियानीं प्रगट करुंक सर्व रितिचो अधार दिल्ल्या म्हजो मित्र मानेसत वल्ली क्वाड्रस हांचो आभार मांदतां.

हो पुसतक छापुंक एका प्रतियेक सरिसुमार ३५० रुपय खर्च बसता. तरी जुबलेवा सुवाळ्यार लोकाक रियायते दरेर अर्पुंक हांवें योजन घाल्लें. ह्या वेळार अदलो विद्यार्थी तशेंच अभिमानी मित्र श्री जोन एरोल स्यामुयेललागीं ही गजाल व्यक्त कर्ताना तो उग्त्या मनान ह्या पुसतकाचो पें?षक जावंक मुकार आयलो. ताका म्हजे आभार अनी देवाचीं विंचणार आशीर्वादां मागतां.

२५-०४-२०२०

मा. बा. मैकल सांतुमायोर
मिलार, मंगळूर.

ಅಭಾರ್

ಹ್ಯಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ **"ಕೆನರಾ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ವೊವಿಯೊ"** ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ಸಂಶೋಧಿಕ್ ಪುಸ್ತಕ್ ಪ್ರಗಟ್ ಕರುಂಕ್ ಅಧಾರ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾಂಕ್, ಸಂದರ್ಶನ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾಂಕ್, ಸಮೀಕ್ಷಾ ಚಲಂವ್ಕ್ ಅಧಾರ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾಂಕ್, ಗರ್ಜೆ ತೆಕಿದ್ ಜೊಕ್ತಿ ಮಾಹೆತ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಮಾನೆಸ್ತ್ ಮಾನೆಸ್ತಿಣಿಂಚೊ ಆನಿ ಹೆರ್ ಸರ್ವಾಂಚೊ ಅಭಾರ್ ಮಾಂದ್ತಾ.

ಹ್ಯಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಸಂಶೋಧಿಕ್ ವಾವ್ರಾಚ್ಯಾ ಅಂಕ್ಡೆ-ಸಾಂಕ್ಡೆ ಜಮಂವ್ಚ್ಯಾ ಪ್ರಶ್ನಾವಳಿಕ್ ಪೂರಕ್ ಜವಾಬ್ ದೀವ್ನ್ ಸಹಕಾರ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಮಾನೆಸ್ತ್ ಮಾನೆಸ್ತಿಣಿಂಕ್ ದಿನ್ವಾಸ್ ಮ್ಹಣ್ತಾಂ.

ಸಂದರ್ಶನಾ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಮಾಹೆತ್ ಆನಿ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ದೀವ್ನ್ ಸಹಕಾರ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಮೊ. ಡೆನಿಸ್ ಮೊರಾಸ್ ಪ್ರಭು, ಅದ್ಲೊ ವಿಗಾರ್ ಜೆರಾಲ್, ಮಂಗ್ಳುರ್ ದಿಯೆಸೆಜ್, ಬಾ. ಪ್ರತಾಪ್ ನಾಯ್ಕ್ ಜೆ.ಸ., ಗೊಂಯ್, ಶ್ರೀ ರೋಯ್ ಕ್ಯಾಸ್ತೆಲಿನೊ, ಅದ್ಲೊ ಅಧ್ಯಕ್ಷ್, ಕರ್ನಾಟಕ ಕೊಂಕಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯ ಅಕಾಡೆಮಿ, ಮಂಗ್ಳುರ್, ಶ್ರೀಮತಿ ಐರಿನ್ ರೆಬೆಲ್ಲೊ, ಕುಲ್ಶೇಕರ್, ಶ್ರೀ ಆಡಿ ರೇಗೊ, ಬೆಂದುರ್, ಶ್ರೀ ವಿಕ್ಟರ್ ಲೋಬೊ, ಬಜಾಲ್, ಶ್ರೀಮತಿ ಫ್ಲೋರಿನ್ ಸಿಕ್ವೇರಾ, ಕುಲ್ಶೇಕರ್ ಹಾಂಚೊ ಉಪ್ಕಾರ್ ಆಟಯ್ತಾಂ.

ತಶೆಂಚ್ ಶ್ರೀಮತಿ ಮಾಗ್ದೆಲಿನ್ ಆರಾನ್ಹಾ, ಗಂಟಾಲ್‌ಕಟ್ಟೆ, ಶ್ರೀಮತಿ ಫ್ಲೋರಿನ್ ಫೆರ್ನಾಂಡಿಸ್, ಕಿನ್ನಿಗೋಳಿ, ಶ್ರೀಮತಿ ಎವ್ಲಿನ್ ಮೊಂತೆರೊ, ವಾಮಂಜೂರ್, ಶ್ರೀ ಸಿಪ್ರಿಯನ್ ಪಿಂಟೊ, ಗಂಟಾಲ್‌ಕಟ್ಟೆ, ಶ್ರೀಮತಿ ಗ್ರೆಟ್ಟಾ ಆರಾನ್ಹಾ, ಗಂಟಾಲ್‌ಕಟ್ಟೆ, ಶ್ರೀಮತಿ ಗ್ರೇಸಿ ಲಸ್ರಾದೊ, ಮೂಡಬಿದ್ರಿ, ಶ್ರೀ ಆಲ್ವಿನ್ ಮಿನೇಜಸ್, ಗಂಟಾಲ್‌ಕಟ್ಟೆ, ಶ್ರೀ ಸುನಿಲ್ ಮಿರಾಂದಾ, ಗಂಟಾಲ್‌ಕಟ್ಟೆ, ಶ್ರೀ ಜೋನ್ ಮೊಂತೇರೊ, ಮಿಲಾರ್, ಶ್ರೀಮತಿ ಲವಿನಾ ಮೊಂತೇರೊ, ಮಿಲಾರ್ ಹಾಂಚೊಯ್ ಉಪ್ಕಾರ್ ಭಾವುಡ್ತಾಂ.

ಹ್ಯಾ ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಕ್ ಸಂದೇಶ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಮಂಗ್ಳುರ್ ದಿಯೆಸೆಜಿಚೊ ನಿವೃತ್ತ್ ಬಿಸ್ಪ್ ಅ. ಮಾ. ದೊ. ಲುವಿಸ್ ಪಾವ್ಲ್ ಸೋಜ್ ಹಾಂಚೊ, ಪ್ರಸ್ತಾವನ್ ಬರಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಮಿಲಾರ್ ಫಿರ್ಗಜೆಚೆ ವಿಗಾರ್ ತಶೆಂಚ್ ಮಿಲಾರ್ ವಿದ್ಯಾಸಂಸ್ಥ್ಯಾಚೆ ಸಂಚಾಲಕ್ ಮಾ. ಬಾ. ಜೋಸೆಫ್ ಲೋಬೊ ಹಾಂಚೊ ಅಭಾರ್ ಮಾಂದ್ತಾಂ.

ಫೋಟೊಗ್ರಾಫಿ ಆನಿ ತಾಂತ್ರಿಕ್ ಸಹಾಯ್ ಒದಗಿಲ್ಲ್ಯಾ ಶ್ರೀ ರೇಯ್ಸನ್ ಪಿಂಟೊ ಆನಿ ಕನ್ನಡಾಂತ್ ಕಂಪ್ಯೂಟರ್ ಟೈಪಿಂಗ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಶ್ರೀಮತಿ ಕ್ಯಾರಲ್ ತಾವ್ರೊ ಹಾಂಚೊ ಉಪ್ಕಾರ್ ಭಾವುಡ್ತಾಂ.

ಹೆಂ ಪುಸ್ತಕ್ ನಾಜೂಕ್ ಥರಾನ್ ಛಾಪುನ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ 'ಕೊಂಕಣ್‌ಗಾರ್ ಪ್ರಕಾಶನ್' ತಶೆಂಚ್ ಪುಸ್ತಕ್ ISBN ಸಂಗಿಂ ತೀನ್ ಲಿಪಿಯಾನಿಂ ಪ್ರಗಟ್ ಕರುಂಕ್ ಸರ್ವ್ ರಿತಿಚೊ ಅಧಾರ್ ದಿಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಜೊ ಮಿತ್ರ್ ಮಾನೆಸ್ತ್ ವಲ್ಲಿ ಕ್ವಾದ್ರಸ್ ಹಾಂಚೊ ಅಭಾರ್ ಮಾಂದ್ತಾಂ.

ಹೊ ಪುಸ್ತಕ್ ಛಾಪುಂಕ್ ಏಕಾ ಪ್ರತಿಯೆಕ್ ಸರಿಸುಮಾರ್ 350 ರುಪಯ್ ಖರ್ಚ್ ಬಸ್ತಾ. ತರೀ ಜುಬ್ಲೆವಾ ಸುವಾಳ್ಯಾರ್ ಲೊಕಾಕ್ ರಿಯಾಯ್ತಿ ದರೆರ್ ಅರ್ಪುಂಕ್ ಹಾಂವೆಂ ಯೋಜನ್ ಘಾಲ್ಲೆಂ. ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಅದ್ಲೊ ವಿದ್ಯಾರ್ಥಿ ತೆಶೆಂಚ್ ಅಭಿಮಾನಿ ಮಿತ್ರ್ ಶ್ರೀ ಜೋನ್ ಎರೊಲ್ ಸ್ಯಾಮುಯೆಲ್‌ಲಾಗಿಂ ಹಿ ಗಜಾಲ್ ವ್ಯಕ್ತ್ ಕರ್ತಾನಾ ತೊ ಉಗ್ತ್ಯಾ ಮನಾನ್ ಹ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಚೊ ಪೋಷಕ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಮುಕಾರ್ ಆಯ್ಲೊ. ತಾಕಾ ಮ್ಹಜೆ ಅಭಾರ್ ಅನಿ ದೆವಾಚೆಂ ವಿಂಚ್ಣ್ಣಾರ್ ಆಶೀರ್ವಾದಾಂ ಮಾಗ್ತಾಂ.

25-04-2020

ಮಾ. ಬಾ. ಮೈಕಲ್ ಸಾಂತುಮಾಯೊರ್
ಮಿಲಾರ್, ಮಂಗ್ಳುರ್.

अध्याय १. कोंकणी संसकृती

आमची कोंकणी संसकृती भोव पुरातन. नाना थराच्या कश्ट-संकश्टांक फूड कर्न आजून सुंदर आनी जिवाळ आसा. संगीत, नाच, नाटक, कला, लोकवेद, खाण, न्हेसण, रिती-रिवाजी, फेसतां परबो आनी गितां-गायान हे सगळे प्रकार संसकृतेच्या आश्रयाखाल येतात.

कोंकणी लोक भोव ग्रेसत तोंडी साहित्य आपणायिल्लो लोक. कोंकणेंत आसचे तितलें ग्रेसत गायानात्मक तोंडी साहित्य दूसऱ्या खंच्या भाशेंती ना म्हण्येत. हें तोंडी साहित्य रुपांनी वा संख्यान तशेंच संदर्भाक सरी जावन गावपाक आसच्या आवकासान ग्रेसत जावंक पावलां. देखीक-काणियो, पदां, गाणां, म्हण्ण्यो, हुमिण्यो, मांडो आनी दुल्पोदां, कंतारां, वेर्स आनी वोवियो.

इतली ग्रेसत संसकृती जी आमचें दायज आनी ह्या दायजाचे वारेसदार आमी म्हणताना आमकां कोंकणी मायेच्या भुग्र्यांक हें दायज जगवन, पोसून, वाडवन, सुंर्गारावन अनिकी चड ग्रेसत कर्न मुखल्यापिळगेक हातांतर कर्चो कायदोयी बांदता. कोंकणी संसकृतेची सार्की व्हळक आमकां कोंकणी मायेच्या भुग्र्यांक अनिकी जावंक ना तें सत. तर ह्या दिशेन प्रयत्नाची खंडीत गर्ज आसा. तर पयल्यान संसकृती म्हळ्यार कितें म्हण समजोन घेव्यां.

१.१ संसकृती म्हळ्यार कितें?

लात्या भाशेंतल्या 'कल्तुरा' आनी फ्रेंच भाशेंतल्या 'कल्तूस' म्हळ्ळ्या सब्दां थावन 'कल्चर' म्हणजे 'संसकृती' म्हळ्ळो सब्द आयला. ह्या दोनी सब्दांचो आर्थ वाडोंवचें, वागोंवचें, लांवचें, रोंवचें म्हणोन जाता.

मनश्यांनी आपल्या जनांगाचे या समुदायाचे कलापरकार, जिण्ये रीत, जाणवाय, व्यवहार, सामाजीक संबंध, राजकीय स्थिती, आचार-विचार, जिण्येचीं मोलां, व्याप्त, तशेंच जिविताक संबंधीत आचरणां, रिती रिवाजी, संपरदाय आपणा थंय वाडवन घेवन मुकल्या पिळगेक हातांतर कर्ची प्रक्रियाच संसकृती.

मनशाच्या भाशेद्वारीं संसकृती एका जनांगा थावन आन्येक जनांगाक हातांतर जाता. संगीत, नाच, न्हेसण, कला, गितां, मात्र न्हय बगार मनश्या जिविताक संबंध जाल्ले सबार हेर विषय आटाप्ता. (अधार: भायल्यान आयलो व्होर -श्रीमती ऐरीन रेबेल्लो - पान संखो ११-१२)

संसकृती म्हळ्यार लोकाची दिस्पडती जीवन रीत. *(Cultural Anthropology - New York, Knopf –Herskovits - 1955)*. मनीस आसल्ल्याकडे संसकृती आसा म्हणता हरस्कोविटस. सर एडवर्ड टैलरच्या उत्रांनी संसकृती म्हळ्यार मनश्यान जोडल्ले समेसत विषय अटाप्ता. एका व्यक्तिच्या दिस्पडत्या जिण्येच्यो रिती रिवाजी, अचार विचार, कला साहित्य, आनी मनोरंजन इत्यादी अटापून आसा.

ಅಧ್ಯಾಯ್ 1. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ

ಆಮ್ಚಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಭೋವ್ ಪುರಾತನ್. ನಾನಾ ಥರಾಚ್ಯಾ ಕಷ್ಟ್-ಸಂಕಷ್ಟಾಂಕ್ ಫುಡ್ ಕರ್ನ್ ಅಜೂನ್ ಸುಂದರ್ ಆನಿ ಜಿವಾಳ್ ಆಸಾ. ಸಂಗೀತ್, ನಾಚ್, ನಾಟಕ್, ಕಲಾ, ಲೋಕ್‌ವೇದ್, ಖಾಣ್, ನ್ಹೆಸಣ್, ರಿತಿ-ರಿವಾಜಿ, ಫೆಸ್ತಾಂ ಪರ್ಬೊ ಆನಿ ಗಿತಾಂ-ಗಾಯನ್ ಹೆ ಸಗ್ಳೆ ಪ್ರಕಾರ್ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚ್ಯಾ ಆಶ್ರಯಾಖಾಲ್ ಯೆತಾತ್.

ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೋಕ್ ಭೋವ್ ಗೇಸ್ತ್ ತೋಂಡಿ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ಆಸ್ಲ್ಲಾಯಿಲ್ಲೊ ಲೋಕ್. ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಆಸ್ಚೆ ತಿತ್ಲೆಂ ಗೇಸ್ ಗಾಯಾನಾತ್ಮಕ್ ತೋಂಡಿ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ದುಸ್ರ್ಯಾ ಖಂಚ್ಯಾ ಭಾಶೆಂತೀ ನಾ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್. ಹೆಂ ತೋಂಡಿ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ರುಪಾಂನಿ ವಾ ಸಂಬಂಧಾನ್ ತಶೆಂಚ್ ಸಂದರ್ಭಾಕ್ ಸರಿ ಜಾವ್ನ್ ಗಾಂವಾಕ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಅವ್ಕಾಸಾನ್ ಗ್ರೇಸ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪಾವ್ಲಾಂ. ದೆಖಿಕ್-ಕಾಣಿಯೊ, ಪದಾಂ, ಗಾಣಾಂ, ಮ್ಹಣ್ಣ್ಯೊ, ಹುಮಿಣ್ಯೊ, ವೋಂಡೊ ಆನಿ ದುಲ್ಪೊದಾಂ, ಕಂತಾರಾಂ, ವೇರ್ಸ್ ಆನಿ ವೊಪಿಯೊ.

ಇತ್ಲಿ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಜಿ ಆಮ್ಕಾಂ ದಾಯ್ಜ್ ಆನಿ ಹ್ಯಾ ದಾಯ್ಜಾಚೆ ವಾರೆಸ್ದಾರ್ ಆಮಿ ಮ್ಹಣ್ತಾನಾ ಆಮ್ಕಾಂ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಮಾಯ್‌ಚ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ಹೆಂ ದಾಯ್ಜ್ ಜಗವ್ನ್, ಪೋಸುನ್, ವಾಡವ್ನ್, ಸುಂಗ್ಹಾರಾವ್ನ್ ಆಸಿಕೀ ಚಡ್ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಕರ್ನ್ ಮುಖ್ಲ್ಯಾ ಪಿಳ್ಗೆಕ್ ಹಾತಾಂತರ್ ಕರ್ಚೊ ಕಾಯ್ದೊಯೀ ಬಾಂದ್ಪಾ. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚಿ ಸಾರ್ಕಿ ವಳೆಕ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಮಾಯ್‌ಚ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ಆಸಿಕೀ ಜಾಂವ್ಕ್ ನಾ ತೆಂ ಸತ್. ತರ್ ಹ್ಯಾ ದಿಶೆನ್ ಪ್ರಯತ್ನಾಚಿ ಖಂಡಿತ್ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ. ತರ್ ಪಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣ್ ಸಮ್ಜೊನ್ ಘೆವ್ಯಾಂ.

1.1 ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ?

ಲಾತಿನ್ ಭಾಶೆಂತ್ಲ್ಯಾ 'ಕಲ್ಚುರಾ' ಆನಿ ಫ್ರೆಂಚ್ ಭಾಶೆಂತ್ಲ್ಯಾ 'ಕಲ್ಟುಸ್' ಮ್ಹಳ್ಯಾ ಸಬ್ದಾಂ ಥಾವ್ನ್ 'ಕಲ್ಚರ್' ಮ್ಹಣ್ಚೆ 'ಸಂಸ್ಕೃತಿ' ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಸಬ್ದ್ ಆಯ್ಲಾ. ಹ್ಯಾ ದೊನ್ಯೀ ಸಬ್ದಾಂಚೊ ಅರ್ಥ್ ವಾಡೊಂವ್ಚೆಂ, ವಾಗೊಂವ್ಚೆಂ, ಲಾಂವ್ಚೆಂ, ರೊಂಪ್ಚೆಂ ಮ್ಹಣೊನ್ ಜಾತಾ.

ಮನ್ಶ್ಯಾಂನಿ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಜನಾಂಗಾಚೆ ಯಾ ಸಮುದಾಯಾಚೆ ಕಲಾಪ್ರಕಾರ್, ಜಿಣ್ಯೆ ರೀತ್, ಜಾಣ್ವಾಯ್, ವ್ಯವಹಾರ್, ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಸಂಬಂಧ್, ರಾಜಕೀಯ್ ಸ್ಥಿತಿ, ಆಚಾರ್-ವಿಚಾರ್, ಜಿಣ್ಯೆಚೆಂ ಮೊಲಾಂ, ವಾಸ್ತ್, ತಶೆಂಚ್ ಜಿವಿತಾಕ್ ಸಂಬಂಧಿತ್ ಆಚರಣಾಂ, ರಿತಿ ರಿವಾಜಿ, ಸಂಪ್ರದಾಯ್ ಆಪ್ಲಿ ಥಂಯ್ ವಾಡವ್ನ್ ಘೆವ್ನ್ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಪಿಳ್ಗೆಕ್ ಹಾತಾಂತರ್ ಕರ್ಚಿ ಪ್ರಕ್ರಿಯಾಚ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿ.

ಮನ್ಶಾಚ್ಯಾ ಭಾಶೆದ್ವಾರಿಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಏಕಾ ಜನಾಂಗಾ ಥಾವ್ನ್ ಆನ್ಯೇಕ್ ಜನಾಂಗಾಕ್ ಹಾತಾಂತರ್ ಜಾತಾ. ಸಂಗೀತ್, ನಾಚ್, ನ್ಹೆಸಣ್, ಕಲಾ, ಗಿತಾಂ, ಮಾತ್ರ್ ನ್ಹಯ್ ಬಗಾರ್ ಮನ್ಶ್ಯಾ ಜಿವಿತಾಕ್ ಸಂಬಂಧ್ ಜಾಲ್ಲೆ ಸಬಾರ್ ಹೆರ್ ವಿಷಯ್ ಆಟಾಪ್ತಾ. (ಆಧಾರ್: ಭಾಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಯ್ಲೊ ವ್ಹೋರ್ - ಶ್ರೀಮತಿ ಐರಿನ್ ರೆಬೆಲ್ಲೊ - ಪಾನ್ ಸಂಖ್ಯೊ 11-12)

ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಲೋಕಾಚಿ ದಿಸ್ಪಡಿ ಜೀವನ್ ರೀತ್. *(Cultural Anthropology - New York, Knopf Herskovits - 1955)*. ಮನಿಸ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಕಡೆ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ತಾ ಹರ್‌ಸ್ಕೋವಿಟ್ಜ್. ಸರ್ ಎಡ್ವರ್ಡ್ ಟೈಲರ್‌ಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂನಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಮನ್ಶ್ಯಾನ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲೆ ಸಮಸ್ತ್ ವಿಷಯ್ ಆಟಾಪ್ತಾ.ಏಕಾ ವ್ಯಕ್ತಿಚ್ಯಾ ದಿಸ್ಪಟ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆಚೊ ರಿತಿ ರಿವಾಜಿ, ಆಚಾರ್ ವಿಚಾರ್, ಕಲಾ ಸಾಹಿತ್ಯ್, ಆನಿ ಮನೋರಂಜನ್ ಇತ್ಯಾದಿ ಆಟಾಪುನ್ ಆಸಾ.

१.२ वोवियांची चरित्रा आनी लोकवेद साहित्य

अट्राव्या शेकड्यांत काजाराच्यो वोवियो गोंयांत प्रख्यात आसल्ल्यो. जुजे पिरेरा आनी मिकायेल मार्टिन्स हांणीं बरयिल्ल्या 'सोंग आफ गोवा' ह्या पुसतकांत वोवी, वेर्स, जोती मुळावी जावन क्रिसतांवांच्या काजाराक संबंध जाल्ल्यो तरी उपरांत इतर विषयांक वापार्तालें म्हण कळयलां. (अधारः मोग्रें कारण – श्री पावल मोरास –पान संखो २५६–२५७)

जोनास बेलीस म्हळ्ळयाच्या उत्रांनी *"Folklore is not a science about a folk but, the traditional folk science and folk poetry"* म्हणजे 'लोकवेद म्हळ्ळें एका लोकवेदा विश्यांत विज्ञान न्हय बगार तें सांपरदायीक विज्ञान आनी लोकवेद काव्य' म्हळ्ळें स्पषट जाता. आशें लोकवेद आदिवासिंच्या आनी नागरीक समाजेच्या सांपरदायीक रचनांचो जमो म्हण लेक्तात. साद्या उत्रांनीं म्हणचें जाल्यार लोकाच्या तोंडा थावन तोंडाक, पिळगे थावन पिळगेक देंवोन आयिल्लें तोंडपाशीं साहित्य. देकून आर्थर टैलर म्हणता *"Folklore consists of materials that are handed on traditionally from generation to generation without a reliable ascription to an inventor or author".*

आमच्या कोंकणी समाजेंत पुर्विल्या काळार थावन लग्ना इत्यादी सांसकृतीक समारंभा वेळार वोवियो वेर्स गांवची सवय आसल्ल्यान संगीताची व्हळक, गिन्यान आनी आभिरूच आदिंमागा थावन मालघड्यांक आसल्ली म्हणच्याक सबार पुरावे झळकतात.

सामाजीक जिण्येंत मात्र न्हंय, धार्मीक आचरणांनी वोवियांचो पात्र वर्तो आसा. मा. बा. तोमास स्टीवन्स (१५४९–१६१९) कोंकणेचो पयलो महान बरयणार आनी इंगलीष मिशोनरी हाणें रचल्लें क्रिसतापुराण वोवियांच्या रुपार आसा. दाकल्याक,

ओ नमो विश्वभरिता
देवा बापा सर्व समर्था
परमेश्वरा सत्यवंता
स्वर्ग पृथवीचेया रचणारा

तूं रिद्धी सिद्धिच्या दातारू
कृपानिधी करुणाकरू
तूं सर्व सुखाच्या सागोरू
अदी अंतू नातोडे

ह्याच प्रकार गोंयांत आनी मंगळुरांत घडल्लीं भक्तीक गितांयी वोवियां रुपार आसात. दाकल्याक,

1.2 ವೊವಿಯಾಂಚಿ ಚರಿತ್ರಾ ಆನಿ ಲೊಕ್‌ವೆದ್ ಸಾಹಿತ್ಯ್

ಅಟಾವ್ಯಾ ಶೆಕ್ಡ್ಯಾಂತ್ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ಗೊಂಯಾಂತ್ ಪ್ರಖ್ಯಾತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಯೊ. ಜುಜೆ ಪಿರೇರಾ ಆನಿ ಮಿಕಾಯೆಲ್ ಮಾರ್ಟಿನ್ಸ್ ಹಾಂಣಿಂ ಬರಯಿಲ್ಯಾ 'ಸೊಂಗ್ ಆಫ್ ಗೋವಾ' ಹ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಂತ್ ವೊಪಿ, ವೇರ್ಸ್, ಜೊತಿ ಮುಳಾವಿ ಜಾವ್ನ್ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವಾಂಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಸಂಬಂಧ್ ಜಾಲ್ಯೊ, ತರೀ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಇತರ್ ವಿಷಯಾಂಕ್ ವಾಪಾರ್ತಾಲಿ ಮ್ಹಣ್ ಕಳಯ್ಲಾಂ. (ಅಧಾರ್: ಮೊಗ್ರೆಂ ಕಾರಣ್ - ಶ್ರೀ ಪಾವ್ಲ್ ಮೊರಾಸ್ -ಪಾನ್ ಸಂಖ್ಯೊ 256–257)

ಜೋನಾಸ್ ಬೆಲೀಸ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾಪ್ರಮಾಣೆಂ ಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂನಿ *"Folklore is not a science about a folk but, the traditional folk science and folk poetry"* ಮ್ಹಣ್ಜೆ 'ಲೊಕ್‌ವೆದ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಎಕಾ ಲೊಕ್‌ವೆದಾ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ವಿಜ್ಞಾನ್ ನ್ಹಯ್ ಬಗಾರ್ ತೆಂ ಸಾಂಪ್ರದಾಯಿಕ್ ವಿಜ್ಞಾನ್ ಆನಿ ಲೊಕ್‌ವೆದ್ ಕಾವ್ಯ್' ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಸ್ಪಷ್ಟ್ ಜಾತಾ. ಆಶೆಂ ಲೊಕ್‌ವೆದ್ ಆದಿವಾಸಿಂಚ್ಯಾ ಆನಿ ನಾಗರಿಕ್ ಸಮಾಜೆಚ್ಯಾ ಸಾಂಪ್ರದಾಯಿಕ್ ರಚ್ನಾಂಚೊ ಜಮೊ ಮ್ಹಣ್ ಲೆಕ್ತಾತ್. ಸಾದ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂನಿಂ ಮ್ಹಣ್ಟಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಲೊಕಾಚ್ಯಾ ತೊಂಡಾ ಥಾವ್ನ್ ತೊಂಡಾಕ್, ಪಿಳ್ಗಿ ಥಾವ್ನ್ ಪಿಳ್ಗೆಕ್ ದೆಂವೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ತೊಂಡಾಳಿಂ ಸಾಹಿತ್ಯ್. ದೆಕುನ್ ಆರ್ಥರ್ ಟೈಲರ್ ಮ್ಹಣ್ತಾ *"Folklore consists of materials that are handed on traditionally from generation to generation without a reliable ascription to an inventor or author"*.

ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಮಾಜೆಂತ್ ಪುರ್ವಿಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಥಾವ್ನ್ ಲಗ್ನಾ ಇತ್ಯಾದಿ ಸಾಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ಸಮಾರಂಭಾ ವೆಳಾರ್ ವೊಪಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ಗಾಂವ್ಚಿ ಸವಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಸಂಗೀತಾಚಿ ವ್ಹಳಕ್, ಗಿನ್ಯಾನ್ ಆನಿ ಆಭಿರೂಚ್ ಆದಿಂಮಾಗಾ ಥಾವ್ನ್ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾಕ್ ಸಬಾರ್ ಪುರಾವೆ ಝುಳ್ಕತಾತ್.

ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ಮಾತ್ರ್ ನ್ಹಂಯ್, ಧಾರ್ಮಿಕ್ ಆಚರಣಾಂನಿ ವೊಪಿಯಾಂಚೊ ಪಾತ್ರ್ ವರ್ತೊ ಆಸಾ. ಮಾ.ಬಾ. ತೊಮಾಸ್ ಸ್ಟೀವನ್ಸ್ (1549–1619) ಕೊಂಕ್ಣೆಚೊ ಪಯ್ಲೊ ಮಹಾನ್ ಬರಯ್ಣಾರ್ ಆನಿ ಇಂಗ್ಲಿಷ್ ಮಿಶೊನರಿ ಹಾಣೆಂ ರಚ್‌ಲ್ಲೆಂ ಕ್ರಿಸ್ತಪುರಾಣ್ ವೊಪಿಯಾಂಚ್ಯಾ ರುಪಾರ್ ಆಸಾ. ದಾಕ್ಲ್ಯಾಕ್.

ಓ ನಮೋ ವಿಶ್ವಭರಿತಾ
ದೇವಾ ಬಾಪಾ ಸರ್ವ ಸಮರ್ಥಾ
ಪರಮೇಶ್ವರಾ ಸತ್ಯವಂತಾ
ಸ್ವರ್ಗ ಪೃಥ್ವೀಚೇಯಾ ರಚಣಾರಾ

ತೂಂ ರಿದ್ಧಿ ಸಿದ್ಧಿಚ್ಯಾ ದಾತಾರೂ
ಕೃಪಾನಿಧಿ ಕರುಣಾಕರೂ
ತುಂ ಸರ್ವ್ ಸುಖಾಚ್ಯಾ ಸಾಗೊರೂ
ಅದೀ ಅಂತೂ ನಾತೋಡೆ

ಹ್ಯಾಚ್ ಪ್ರಕಾರ್ ಗೊಂಯಾಂತ್ ಆನಿ ಮಂಗ್ಳುರಾಂತ್ ಘಡ್‌ಲ್ಲಿಂ ಭಕ್ತಿಕ್ ಗಿತಾಂಯೀ ವೊವಿಯಾಂ ರುಪಾರ್ ಆಸಾತ್. ದಾಕ್ಲ್ಯಾಕ್.

असुंम्सांव दीस
नीरममळ वोर
आंज भडवे गायान करतीं
नोवयी कोर.

फांत्यार कोंब्या सादारी
आंकवार मरी असली ध्यानारी
आंज गाबरियेल भडवो येवन
दिली तिका एक खबारी

वोवियां प्रकार आनी अलंकार, बाराव्या थावन चवदाव्या शेकड्यांत १२७०–१३५० इस्वे मधें संत नाम देवान बरयिल्ल्यो कविता वोविये रुपीं आसात म्हण तज्ञ सांग्तात.

पाव गा दातारा, पाव गा दातारा
तूं नंदलो झिलो, म्हाका फडको दी
मीं हिंवान मेलीं, घे म्हजो कोयतो
देवा पायां पडलीं.

पणजेच्या श्रीमती प्रियदर्शिनी ताडकोडकर हिणें केल्ल्या संशोधा पर्माणें चिल्लय बाळ आनी इजाक बाळ कविता वोविये रुपार आसा.

चिल्लय बाळ
चिल्लय, कंगणी ताचा
आवयक एकलोच बाळ

इजाक बाळ
आबरांव आनी सारेक
इजाक एकलोच पूत

मूळ ज्ञानेश्वरी
आज श्रवणेंद्रिया पिकलें
जे येणें गिता निधान देखेलें
आतां स्वपणची हें तुकलें
साचासरी सें

(अधार: मोग्रें कारण–श्री पावल मोरास – पान संखो २२७–२३०).

ಅಸುಂಮ್ಲಾಂವ್ ದೀಸ್
ನಿರ್ಮಳ್ ವೊರ್
ಆಂಜ್ ಭಡ್ವೆ ಗಾಯಾನ್ ಕರ್ತಿ
ನೋವ್‌ಯಿ ಕೋರ್.

ಫಾಂತ್ಯಾರ್ ಕೊಂಬ್ಯಾ ಸಾದಾರಿ
ಆಂಕ್ವಾರ್ ಮರಿ ಅಸ್ಲಿ ಧ್ಯಾನಾರಿ
ಆಂಜ್ ಗಾಬ್ರಿಯೆಲ್ ಭಡ್ವೊ ಯೇವ್ನ್
ದಿಲಿ ತಿಕಾ ಏಕ್ ಖಬಾರಿ

ವೊಪಿಯಾಂ ಪ್ರಕಾರ್ ಆನಿ ಅಲಂಕಾರ್. ಬಾರಾವ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಚವ್ದಾವ್ಯಾ ಶೆಕ್ಡ್ಯಾಂತ್ 1270–1350 ಇಸ್ವೆ ಮಧೆಂ ಸಂತ ನಾಮ ದೆವಾನ್ ಬರಯಿಲ್ಲ್ಯೊ, ಕವಿತಾ ವೊಪಿಯೆ ರುಪಿಂ ಆಸಾತ್ ಮ್ಹಣ್ ತಜ್ಞ್ ಸಾಂಗ್ತಾತ್.

ಪಾವ್ ಗಾ ದಾತಾರಾ. ಪಾವ್ ಗಾ ದಾತಾರಾ
ತುಂ ನಂದಲೊ ಝಿಲೊ. ಮ್ಹಾಕಾ ಫಡಕೊ ದಿ
ಮಿಂ ಹಿಂವಾನ್ ಮೆಲಿಂ. ಘೆ ಮ್ಹುಜೊ ಕೊಯ್ತೊ
ದೆವಾ ಪಾಯಾಂ ಪಡ್‌ಲಿಂ.

ಪಣಜೆಚ್ಯಾ ಶ್ರೀಮತಿ ಪ್ರಿಯದರ್ಶಿನಿ ತಾಡ್ಕೋಡ್ಕರ್ ಹಿಶೆಂ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಸಂಶೋಧಾ ಪರ್ಮಾಣೆಂ ಚಿಲ್ಲಯ ಬಾಳ್ ಆನಿ ಇಜಾಕ್ ಬಾಳ್ ಕವಿತಾ ವೊಪಿಯೆ ರುಪಾರ್ ಆಸಾ.

ಚಿಲ್ಲಯ ಬಾಳ್
ಚಿಲ್ಲಯ, ಕಂಗಣಿ ತಾಚಾ
ಆವಯ್ಕ್ ಎಕ್ಲೊಚ್ ಬಾಳ್

ಇಜಾಕ್ ಬಾಳ್
ಆಬ್ರಾಂವ್ ಆನಿ ಸಾರೇಕ್
ಇಜಾಕ್ ಏಕ್ಲೊಚ್ ಪೂತ್

ಮೂಳ್ ಜ್ಞಾನೇಶ್ವರಿ
ಆಜ್ ಶ್ರವಣೇಂದ್ರಿಯಾ ಫಿಕಲೆಂ
ಜೆ ಯೆಣೆಂ ಗಿತಾ ನಿಧಾನ್ ದೆಖಿಲೆಂ
ಆತಾಂ ಸ್ವಪ್ನಚಿ ಹೆಂ ತುಕಲೆಂ
ಸಾಚಾಸರಿ ಸೆಂ

[redacted]

अध्याय २. वोवियो म्हळ्यार कितें?

वोवियो वेर्स कोंकणी लोकवेदाचो मुळावो दाखलो. वोवी सब्दाचें सांसकृतीक मूळ व्र/व्री, म्हळ्यार विंचवण. काजाराचिपराय भरल्लीं चलो आनी चली आपल्या पुडाराची विंचवण कर्तात. ह्या संदर्भार ह्या जोड्याक बूदबाळ सांगुंक, तांची प्रशंसा करुंक वा इल्ले तमाशे करुंक वोवियांचो प्रयोग जातालो. (अधारः मोग्रें कारण – श्री पावल मोरास–पान संखो २५६)

कोणी आपयताना ओ.... म्हळ्ळी जवाब दितात. तशेंच वोवियो म्हणताना एकली सुरू कर्ता. तिका जवाब जावन अन्येकली व्हयवे या ओवे.... म्हणता. बहुशाः ह्या पाटभुंयत 'वोवियो' म्हळ्ळें नांव आयलांयी जाव्येत.

वोवियो दोन वाक्यां सांगाता मेळोन प्रास घालन गांवचें एक गायन. आदलीं आमचीं मालघडीं जाण्वायेन, आनबोगान भरोन, ही जाण्वाय आनी अनबोग तर्नाट्यांक तांचें कुटाम बांधून हाडच्याक वोवियां रुपार वांटतालीं. कोंकणी भाशेच्या उत्रांची ग्रेसतकाय, जाण्वाय आनी आनबोगाची झर ह्या वोवियां मारिफात व्हाळताली. लोकाचें मन आनी गमन काऱ्यांत वोडन दवर्ची सकत वोवियांक आसा. (अधारः भायल्यान आयलो व्होर – श्रीमती ऐरीन रेबेल्लो – पान संखो २३)

वोवियो कोंकणी लोकवेद साहितीक दायजांतलीं आमूल्य आनी विशिषट वज्रां, जांचें स्थान–मान कोंकणेंत अपूट आनी नितळ उरलां. तत्कालीन समाजिच्ये जिण्येक आर्सो धरल्ल्याबरी आसच्या ह्या कवितेंच्या शिकपावर्वीं मनोवैज्ञानीक, समाज–शासत्रीय आनी मानव–शासत्रीय दिश्टिंनी मनशाच्या वाडावळेचीं मेटां पार्कुंक जातात म्हण हे वाटेन चलल्ले जाणारी सांग्तात. 'वोवियो वेर्स घडल्ले नाडकार जाल्यारयी भेरे नहीं, पूण सुसंसकृत आनी सुंर्गारी लोक म्हण कळता. ह्या पदांनी व्यक्ती वर्नी समाजेक, एकल्याच्या गुणा वर्नी रिती–रिवाजिंक चडीत मऱ्याद आनी स्थान दिलां. सामाजीक जिण्येंत मात्र नहीं, धार्मीक लिखितांतयी वोवियांचो पात्र वर्तो आसा' म्हणता श्री सिरील माडता, (कोंकणी दायज, सां लुवीस कोलेज कोंकणी संस्थो, पान संखो ४५).

'वोवियो' ओंदू काऱ्यक्रमवन्नू मुन्नडेसूव, चेंदगाणिसूव उद्देशदिंद हाडूव गीतेगळ संग्रह एंदू मोलनोटक्के काणुत्तदेयादरू अवुगळल्ली अपार सामाजीक मार्गदर्शनद बेळकन्नू नावू गुरुतिसुत्तेवे. कोंकणी जनांगद चारित्रीक बेळवणिगेय होळहुगळू इल्ली मिंची मायवागुत्तवे. विवाह संदर्भदल्ली वधुवररिगे अगत्य सामाजीक मार्गदर्शनवन्नू इल्ली ओदगिसलागिदे. कोंकणी जानपद मौखीक साहित्यवू कोंकणी लिखीत साहित्यद मेले तन्न विसत्रत प्रभाववन्नू बीरिदे एन्नुवुदन्नू निस्संशयवागी हेळबहुदागिदे. आशें म्हणता 'कोंकणी कसतूरी' पुसतकांत श्री स्टीवन क्वाड्रस पेर्मुदे [पान संखो २३, २५].

२.१ वोवियो म्हणची रीत

१८ व्या शेकड्यांत वोवियो गोंयांत प्रख्यात जावनासल्ल्यो. चडुणें एकणिसाव्या शेकड्याच्या मदगात पऱ्यांत वोवियो काजारा वेळार गांवचीं पदां जावनासोन, गोंयच्या संगीताचें प्रख्यात प्रतिरूप जावनासल्लें.अतां गोंयांत श्हेरांनी ह्यो वोवियो म्हणची

ಅಧ್ಯಾಯ್ 2. ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ?

ವೊವಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೊಕ್‌ವೆದಾಚೊ ಮುಳಾವೊ ದಾಖ್ಲೊ. ವೊವಿ ಸಬಾಚೆಂ ಸಾಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ಮೂಳ್ ವ್ರ/ಪ್ರ, ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಪಂಚವ್ಣ್. ಕಾಜಾರಾಚಿ ಪ್ರಾಯ್ ಭರ್‌ಲ್ಲಿಂ ಚೆಲೊ ಆನಿ ಚೆಲಿ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಫುಡಾರಾಚಿ ಪಂಚವ್ಣ್ ಕರ್ತಾತ್. ಹ್ಯಾ ಸಂದರ್ಭಾರ್ ಹ್ಯಾ ಜೊಡ್ಯಾಕ್ ಬೂದ್‌ಬಾಳ್ ಸಾಂಗುಂಕ್, ತಾಂಚಿ ಪ್ರಶಂಸಾ ಕರುಂಕ್ ವಾ ಇಲ್ಲೆ ತಮಾಸೆ ಕರುಂಕ್ ವೊವಿಯಾಂಚೊ ಪ್ರಯೋಗ್ ಜಾತಾಲೊ. (ಆಧಾರ್: ಮೊಗ್ರೆಂ ಕಾರಣ್ - ಶ್ರೀ ಪಾವ್ಲ್ ಮೊರಾಸ್-ಪಾನ್ ಸಂಖೊ 256)

ಕೊಣೀ ಆಪಯ್ಯಾನಾ ಓ.... ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಜವಾಬ್ ದಿತಾತ್. ತಶೆಂಚ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾನಾ ಎಕ್ಲಿ ಸುರು ಕರ್ತಾ. ತಿಕಾ ಜವಾಬ್ ಜಾವ್ನ್ ಅನ್ಯೇಕ್ಲಿ ವ್ಹಯ್‌ವೇ ಯಾ ಓವೇ.... ಮ್ಹಣ್ತಾ. ಬಹುಶಾಃ ಹ್ಯಾ ಪಾಟ್‌ಭುಂಯ್ತ್ 'ವೊವಿಯೊ' ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ನಾಂವ್ ಆಯ್ಲಾಂಯ್ಯೀ ಜಾವ್ಯೆತ್.

ವೊವಿಯೊ ದೋನ್ ವಾಕ್ಯಾಂ ಸಾಂಗಾತಾ ಮೆಳೊನ್ ಪ್ರಾಸ್ ಘಾಲ್ನ್ ಗಾಂವ್ಚೆಂ ಏಕ್ ಗಾಯನ್. ಆಟ್ಲಿಂ ಆಮ್ಚಿಂ ಮಾಲ್ಘಡಿಂ ಜಾಣ್ತಾಯೆನ್, ಅನ್ಭೊಗಾನ್ ಭರೊನ್, ಓ ಜಾಣ್ತಾಯ್ ಆನಿ ಅನ್ಭೋಗ್ ತೆರ್ನಾಟ್ಯಾಂಕ್ ತಾಂಚೆಂ ಕುಟಾಮ್ ಬಾಂಧುನ್ ಹಾಡ್ಚ್ಯಾಕ್ ವೊವಿಯಾಂ ರುಪಾರ್ ವಾಂಟಾಲಿಂ. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಶೆಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂಚಿ ಗ್ರೇಸ್‌ಕಾಯ್, ಜಾಣ್ತಾಯ್ ಆನಿ ಅನ್ಭೋಗಾಚಿ ಝುರ್ ಹ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂ ಮಾರಿಫಾತ್ ವ್ಹಾಳ್ತಾಲೆ. ಲೊಕಾಚೆಂ ಮನ್ ಆನಿ ಗಮನ್ ಕಾಯ್ರಾಂತ್ ವೋಡ್ನ್ ದವರ್ಚೆ ಸಕತ್ ವೊವಿಯಾಂಕ್ ಆಸಾ. (ಆಧಾರ್: ಭಾಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಯ್ಲೊ ವ್ಹೊರ್ - ಶ್ರೀಮತಿ ಐರಿನ್ ರೆಬೆಲ್ಲೊ - ಪಾನ್ ಸಂಖೊ 23)

ವೊವಿಯೊ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೊಕ್‌ವೆದ್ ಸಾಹಿತಿಕ್ ದಾಯ್ಜಾಂತ್ಲಿಂ ಅಮೂಲ್ಯ್ ಆನಿ ವಿಶಿಷ್ಟ್ ವಜ್ರಾಂ, ಜಾಂಚೆಂ ಸ್ಥಾನ್-ಮಾನ್ ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಅಪ್ರುಟ್ ಆನಿ ನಿತಳ್ ಉರ್ಲಾಂ. ತತ್ಕಾಲೀನ್ ಸಮಾಜಿಚ್ಯೆ ಜಿಣ್ಯೆಕ್ ಆರ್ಸೊ ಧರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಬರಿ ಆಸ್ಲ್ಯಾನ್ ಹ್ಯಾ ಕವಿತೆಂಚ್ಯಾ ಶಿಕಾವ್ಣೆಂ ಮನೋವೈಜ್ಞಾನಿಕ್, ಸಮಾಜ್-ಶಾಸ್ತ್ರೀಯ್ ಆನಿ ಮಾನವ್-ಶಾಸ್ತ್ರೀಯ್ ದಿಶೆಂನಿ ಮೆಸ್ತಾಚ್ಯಾ ವಾಡಾವಳೆಚಿಂ ಮೆಟಾಂ ಪಾರ್ಕುಂಕ್ ಜಾತಾತ್ ಮ್ಹಣ್ ಹೆ ವೊಟೆನ್ ಚೆಲ್ಲೆ ಜಾಣ್ವಾರಿ ಸಾಂಗಾತ್. 'ವೊವಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ಘಡ್‌ಲ್ಲೆ ನಾಡ್ಯಾರ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್‌ಯೀ ಘೆರೆ ನಹಿಂ. ಫುಣ್ ಸುಸಂಸ್ಕೃತ್ ಆನಿ ಸುಂಗಾರ್ಾರಿ ಲೋಕ್ ಮ್ಹಣ್ ಕಳ್ತಾ. ಹ್ಯಾ ಪದಾಂನಿ ವ್ಯಕ್ತಿ ವರ್ನಿ ಸಮಾಜೆಕ್, ಎಕ್ಲ್ಯಾಚ್ಯಾ ಗುಣಾ ವರ್ನಿ ರಿತಿ-ರಿವಾಜಿಂಕ್ ಚಡಿತ್ ಮರ್ಯಾದ್ ಆನಿ ಸ್ಥಾನ್ ದಿಲಾಂ. ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಜಿಣ್ಯೆಂತ್ ಮಾತ್ ನಹಿಂ, ಧಾರ್ಮಿಕ್ ಲಿಖಿತಾಂತ್‌ಯೀ ವೊವಿಯಾಂಚೊ ಪಾತ್ ವರ್ತೊ ಆಸಾ' ಮ್ಹಣ್ತಾ ಶ್ರೀ ಸಿರಿಲ್ ಮಾಡ್ತಾ, (ಕೊಂಕ್ಣಿ ದಾಯ್ಜ್, ಸಾಂ ಲುವಿಸ್ ಕೊಲೆಜ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಥೊ, ಪಾನ್ ಸಂಖೊ 45).

'ವೊವಿಯೊ' ಒಂದು ಕಾರ್ಯಕ್ರಮವನ್ನು ಮುನ್ನಡೆಸುವ, ಚೆಂದಗಾಣಿಸುವ ಉದ್ದೇಶದಿಂದ ಹಾಡುವ ಗೀತೆಗಳ ಸಂಗ್ರಹ ಎಂದು ಮೇಲ್ನೋಟಕ್ಕೆ ಕಾಣುತ್ತದೆಯಾದರೂ ಅವುಗಳಲ್ಲಿ ಅಪಾರ ಸಾಮಾಜಿಕ ಮಾರ್ಗದರ್ಶನದ ಬೆಳಕನ್ನು ನಾವು ಗುರುತಿಸುತ್ತೇವೆ. ಕೊಂಕಣಿ ಜನಾಂಗದ ಚಾರಿತ್ರಿಕ ಬೆಳವಣಿಗೆಯ ಹೊಳಹುಗಳು ಇಲ್ಲಿ ಮಿಂಚಿ ಮಾಯವಾಗುತ್ತವೆ. ವಿವಾಹ ಸಂದರ್ಭದಲ್ಲಿ ವಧುವರರಿಗೆ ಅಗತ್ಯ ಸಾಮಾಜಿಕ ಮಾರ್ಗದರ್ಶನವನ್ನೂ ಇಲ್ಲಿ ಒದಗಿಸಲಾಗಿದೆ. ಕೊಂಕಣಿ ಜಾನಪದ ಮೌಖಿಕ ಸಾಹಿತ್ಯವು ಕೊಂಕಣಿ ಲಿಖಿತ ಸಾಹಿತ್ಯದ ಮೇಲೆ ತನ್ನ ವಿಸ್ತೃತ ಪ್ರಭಾವವನ್ನು ಬೀರಿದೆ ಎನ್ನುವುದನ್ನು ನಿಸ್ಸಂಶಯವಾಗಿ ಹೇಳಬಹುದಾಗಿದೆ. ಆಶೆಂ ಮ್ಹಣ್ತಾ 'ಕೊಂಕಣಿ ಕಸ್ತೂರಿ' ಪುಸ್ತಕಾಂತ್ ಶ್ರೀ ಸ್ಟೀವನ್ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್ ಪೆರ್ಮುದೆ [ಪಾನ್ ಸಂಖೊ 23, 25].

2.1 ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚೆ ರೀತ್

18 ವ್ಯಾ ಶೆಕ್ಡ್ಯಾಂತ್ ವೊವಿಯೊ ಗೊಂಯಾಂತ್ ಪ್ರಖ್ಯಾತ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಚಡುಣೆಂ ಎಕ್ಣಿಸಾವ್ಯಾ ಶೆಕ್ಡ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮದ್ಗಾತ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ವೊವಿಯೊ ಕಾಜಾರಾ ವೆಳಾರ್ ಗಾಂವ್ಚೆಂ

रिवाज आळवोन गेल्या जाल्यारी कांय हळ्ळेंनी क्रिसतांवाच्या घरांनी आनी गौडी अनी कुणबी हांच्या लग्नांचा काऱ्यावेळीं वोवियो म्हणतात म्हण आयकोंक मेळता.

एकली वोवी म्हणता तर हेरां सकडां वोवे म्हणोन पयलेंच्या आध्यां वाक्याच्या अखेरिचो सब्द ताका कुडसून ताच्या उपरांतलें अर्धें वाक्य पयलेंच्याच ताळ्यान गांवचें जावनासा वोवियो म्हणची रीत. पयलें एक वोवी एकली म्हणता. ताचे उपरांत सकडां जाप दितात. हऱ्येक वोवी दोन पावटीं म्हणतात.

कोंकणी भाषेंत ओळकोंच्या वोवियेक एक कवितेचें रूप आसा. त्यो चार वोळिंच्यो आसोन, सामान्य जावन सुर्विल्यो तीन वोळी लांब आनी प्रासाभरीत आसतात. निमाणी वोळ मटवी आसोन चडावत प्रासारहीत आसता. पयलेंच्यो तीन वोळी पांच थावन पंद्रा अक्षरां आनी चवती वोळ तीन थावन चडुणें तेरा अक्षरां आसतात. संगीतांत 'वोवी' चारीय वोळिंक ताळ दिता.

दृषटांताक –

(१) सुर्विल्यो तीन वोळी प्रासाभरीत निमाणी वोळ प्रासारहीत

१. आपरोसाची वाटली
कासगारान पेटली
रुजाय मांय भेटली
ह्या रोसालागीं

२. सोनाराचे साळे
दिसाक दिवे जळे
चंद्र सूऱ्यो खेळे
तुजे पिडुकेर

३. किरंगळी मुदी
उसळ्ळी ती बिदी
कुळैवोंती सोदी
आमचो येज्मानी

(२) थोड्या वोव्यांनी चारीय पंग्ती एकाच्च थरान अखेर जातात

१. कोंबो मारूं मासा
नारल पोडूं रोसा
जेवणाक वेळ आसा
वोवळीं सोप्यार बोसा

२. किरा तुजा बोंची
साळचो तांदू विंची
साळेर खैंचा गांवची
वोरेतान पार्कून सांगची

(३) जायत्या वोव्यानी दुस्री आनी तिस्री पंग्ती एकाच्च थरान अकेर जातात.

१. सकाळीं माळ्ळीं फुलां
सांजेर बावोलीं
आल्मा पावोलीं
या रोसालागीं

२. तळ्याचा बांदार
चरोन गेली कुरली
पर्गांवांत उरली
येज्मानी जाव तुजी

(४) जायत्या वोव्यानी दुस्री आनी चवती पंग्ती एकाच्च थरान अकेर जातात.

१. तांब्याची भाणी
तापैलां पाणी
वोकाल नाता नाण
आज आंकवार्पोणी

(अधारः मोग्रें कारण – श्री पावल मोरास –पान संखो २५६–२५७)

ಪದಾಂ ಜಾವ್ನಾಸೊನ್, ಗೊಂಯ್ಚ್ಯಾ ಸಂಗೀತಾಚೆಂ ಪ್ರಭಾತ್ ಪ್ರತಿರೂಪ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಆತಾಂ ಗೊಂಯಾಂತ್ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಹ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚಿ ರಿವಾಜ್ ಅಳ್ಳೊನ್ ಗೆಲ್ಯಾ, ಜಾಲ್ಯಾರಿ ಕಾಂಯ್ ಪಳೆಂನಿ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವಾಚ್ಯಾ ಘರಾಂನಿ ಆನಿ ಗೌಡಿ ಆನಿ ಕುಣ್ಬಿ ಹಾಂಚ್ಯಾ ಲಗ್ನಾಂಚ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಾವೆಳಿಂ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್ ಮ್ಹಣ್ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾ.

ಎಕ್ಲಿ ವೊಪಿ ಮ್ಹಣ್ತಾ ತರ್ ಹೆರಾಂ ಸಕ್ಕಾಂ ವೊವೇ ಮ್ಹಣೊನ್ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ಯಾ ಅರ್ಧ್ಯಾ ಪಾಕ್ಯಾಚ್ಯಾ ಅಖೇರಿಚೊ ಸಬ್ದ್ ತಾಕಾ ಕುಡ್ನ್ ತಾಚ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ಲೆಂ ಅರ್ಧೆಂ ವಾಕ್ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ಯಾಚ್ ತಾಳ್ಯಾನ್ ಗಾಂವ್ಚೆಂ ಜಾವ್ನಾಸಾ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚಿ ರೀತ್. ಪಯ್ಲೆಂ ಏಕ್ ವೊಪಿ ಎಕ್ಲಿ ಮ್ಹಣ್ತಾ. ತಾಚೆ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಸಕ್ಕಾಂ ಜಾಪ್ ದಿತಾತ್. ಹರ್ಯೆಕ್ ವೊಪಿ ದೋನ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್.

ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಷೆಂತ್ ಒಳ್ಖೊಂಚ್ಯಾ ವೊಪಿಯೆಕ್ ಏಕ್ ಕವಿತೆಚೆಂ ರೂಪ್ ಆಸಾ. ತ್ಯೊ ಚಾರ್ ವೊಳಿಂಚ್ಯೊ ಆಸೊನ್, ಸಾಮಾನ್ ಜಾವ್ನ್ ಸುರ್ಯೆಲ್ಯೊ ತೀನ್ ವೊಳಿ ಲಾಂಬ್ ಆನಿ ಪ್ರಾಸಾಭರಿತ್ ಆಸಾತ್. ನಿಮಾಣಿ ವೊಳ್ ಮಟ್ವಿ ಆಸೊನ್ ಚಡಾವತ್ ಪ್ರಾಸಾರಹಿತ್ ಆಸಾ. ಪಯ್ಲೆಂಚ್ಯೊ ತೀನ್ ವೊಳಿ ಪಾಂಚ್ ಥಾವ್ನ್ ಪಂದ್ರಾ ಅಕ್ಷರಾಂ ಆನಿ ಚವ್ಥಿ ವೊಳ್ ತೀನ್ ಥಾವ್ನ್ ಚಡ್ನೆಂ ತೆರಾ ಅಕ್ಷರಾಂ ಆಸ್ತಾತ್. ಸಂಗೀತಾಂತ್ 'ವೊಪಿ' ಜಾತಿಯ್ ವೊಳಿಂಕ್ ತಾಳ್ ದಿತಾ.

ದೃಷ್ಟಾಂತಾಕ್ –

(1) ಸುರ್ಯೆಲ್ಯೊ ತೀನ್ ವೊಳಿ ಪ್ರಾಸಾಭರಿತ್ ನಿಮಾಣಿ ವೊಳ್ ಪ್ರಾಸಾರಹಿತ್

1. ಆಪ್ಪೊಸಾಚಿ ವಾಟ್ಲಿ
ಕಾಸ್ತಾರಾನ್ ಪಟ್ಲಿ
ರುಜಾಯ್ ಮಾಂಯ್ ಭೆಟ್ಲಿ
ಹ್ಯಾ ರೊಸಾಲಾಗಿಂ

2. ಸೊನಾರಾಚಿ ಸಾಳಿ
ದಿಸಾಕ್ ದಿವೆ ಜಳಿ
ಚಂದ್ ಸುರ್ಯೊ ಪೆಳಿ
ತುಜೆ ಪಿಡ್ಕುಕರ್

3. ಕಿರಂಗಳಿ ಮುದಿ
ಉಸಳ್ಳಿ ತಿ ಜಿದಿ
ಕುಳ್ವೊಂತಿ ಸೊದಿ
ಆಮ್ಚೊ ಯೆಜ್ಮಾನ್

(2) ಘೊಡ್ಯಾ ವೊವ್ಯಾಂನಿ ಚಾರಿಯ್ ಪಂಗ್ತಿ ಎಕಾಚ್ಚ್ ಥರಾನ್ ಅಖೇರ್ ಜಾತಾತ್

1. ಕೊಂಬೊ ಮಾರುಂ ಮಾಸಾ
ನಾರ್ಲ್ ಫೊಡುಂ ರೊಸಾ
ಜೆವ್ಣಾಕ್ ವೇಳ್ ಆಸಾ
ವೊಪ್ಯಂ ಸೊಪ್ಯಾರ್ ಬೊಸಾ

2. ಕಿರಾ ತುಜಾ ಬೊಂಚಿ
ಸಾಳ್ಯೊ ತಾಂದು ವಿಂಚಿ
ಸಾಳೇರ್ ಖ್ಯೆಂಚಾ ಗಾಂಚ್ಚಿ
ವೊರೆತಾನ್ ಪಾರ್ಕುನ್ ಸಾಂಗ್ಚಿ

(3) ಜಾಯ್ತ್ಯಾ ವೊವ್ಯಾನಿ ದುಸ್ರಿ ಆನಿ ತಿಸ್ರಿ ಪಂಗ್ತಿ ಎಕಾಚ್ಚ್ ಥರಾನ್ ಅಕೇರ್ ಜಾತಾತ್.

1. ಸಕಾಳಿಂ ಮಾಳಿಂ ಫುಲಾಂ
ಸಾಂಜೆರ್ ಬಾವ್ಲೊಲಿಂ
ಆಲ್ಮಾ ಪಾವ್ಲೊಲಿಂ
ಯಾ ರೊಸಾಲಾಗಿಂ

2. ತಳ್ಯಾಚಾ ಬಾಂದಾರ್
ಚರೊನ್ ಗೆಲಿ ಕುರ್ಲಿ
ಪಗಾರ್ಂವಾಂತ್ ಉರ್ಲಿ
ಯೆಜಾನಿ ಜಾವ್ ತುಜಿ

(4) ಜಾಯ್ತ್ಯಾ ವೊವ್ಯಾನಿ ದುಸ್ರಿ ಆನಿ ಚವ್ತಿ ಪಂಗ್ತಿ ಎಕಾಚ್ಚ್ ಥರಾನ್ ಅಕೇರ್ ಜಾತಾತ್.

1. ತಾಂಬ್ಯಾಚಿ ಭಾಣಿ
ತಾಪೆಲಾಂ ಪಾಣಿ
ವೊಕ್ಲ್ ನಾತಾ ನಾಣ್
ಆಜ್ ಆಂಕ್ವಾರ್ಪೊಣಿ

(ಆಧಾರ್: [illegible])

अध्याय ३. केनरांत कातोलीक वोवियां संसकृती

कोंकणी संशोधक मा. बा. प्रताप नायक जे.स. पर्माणें हिंदू समाज तांच्या सामाजीक तशें धार्मीक काऱ्यांनी वोवियो आरंभ जाल्ल्यो म्हणता. आनी त्या वोवियांनी हिंदू देव देवतांचो उल्लेक आसा.

पोर्चुगिसांच्या काळार कन्वेडतर जाल्ल्या क्रिसतांवांनी त्या वोवियांनी गणपती असल्लेकडे जेजू केलें. सांतेरिमाय काडन रोजार सायबीण केलें. ह्या वर्वीं वोवियो क्रिसतांव शिक्षण दींवकी (दोतोर्न) एक हातेर जालें.

मंगळूरच्यार कातोलीक कोंकणी संसकृतिचीं पाळां गोंयां थावन आयल्यांत. चडुणें अट्राव्या शेकड्याच्या आरंभार गोंयां थावन पोळन आयिल्ले क्रिसतांव तांचे सांगाता कंतारां, पदां संगीं कोंकणी संसकृती, वोवियो वेर्स घेवन मंगळुराक आयले म्हण चरित्रा सांग्ता.कोंकणी क्रिसतांव प्रत्येक जावन काजारा सोबाणां काऱ्यक्रमांनी संदर्भातिकीद वोवियो रचून गायतालीं म्हळ्ळें चरित्रे थावन आमकां कळता. (मोग्रें कारण–श्री पावल मोरास – पान संखो २५८).

कोंकणी संसकृतेंत लोकवेद गीत–संगीत प्रमूख पात्र घेता. हांतू वोवियो, वेर्स अजूनी आमच्या मंगळुर्च्या काजार सोबाणांनी जिवंत दिसता. ह्या वर्वीं आमचीं काऱ्यीं सांसकृतीक सोबाणां ग्रेसत आसात.

केनरा कोंकणी कातोलीक समुदायाच्या संसकृतेंत गायानाक विशेस स्थान आसा. वोवियो वेर्स ह्या गायानाचो एक अपरूप प्रकार.शिकपी अशिकपी, दुबळो ग्रेसत, दादलो आनी स्त्री म्हळ्ळो भेद नासताना सकडांनी गावंक जांवचें तोंडपी साहित्य वोवियो वेर्स. (भायल्यान आयलो व्होर – वोवियो वेर्स संग्रहण – श्रीमती ऐरीन रेबेल्लो – पान संखो १६)

वोवियो वेर्स आमच्या केनरा कोंकणी लोकाचें खाशेलेंपण. ह्या वोवियांनी देवभक्त आसा. मरिये मायेक, सांता भक्तांक मान आसा. होकले नोवऱ्याची व्हळक दीवंक, बूदबाळ सांगुंक, मालघड्यांचो आशीर्वाद मागोंक, मालघड्यांक गवरव दीवंक उलो ह्या वोवियांनी आसा म्हणता हेरोल्पियूस आपल्या कोंकणी क्रिसतांव काजारां पुसतकांत (पान संखो २४–२५).

केनरा कोंकणी क्रिसतांवाच्या लग्ना संबंधीत काऱ्यांनी वोवियो प्रधान आकरषण जावनासोन काऱ्याची सोभाय चडयतात मात्र न्हंय आमच्या संसकृतेच्या ग्रेसतकायेची वळक कर्न दितात.शिकपी–अशिकपी, दुबळो–ग्रेसत म्हळ्ळो भेद नासतानां सकडां वोवियांक महत्व दितात.

आदल्या काळार आमच्या मंगळुरांत काजारां सोभाणां अपरूप आसल्लीं. ह्या वर्वीं कुटमाचे सांदे आनी सयरे हप्त्या पयलेंच सांगाता मेळतालीं. माटोव घालन आरंभ जाल्लें काऱ्यें पोर्तापणांत संप्तालें. काजाराच्या आदल्या दिसा रोसाचें काऱ्यें मांडून हाडताले. ह्या वेळार दादले सगळे सरबाराय कर्च्यांत आनी रांदपांत मग्न जाताना स्त्रीयो मागणें, वोवियो म्हणोन सांसकृतीक रंगान सोभयतालीं. मालघडीं सयरिंधयरीं होकले नवऱ्याक बूदबाळ सांगून ह्या मुकांत्र लग्नाच्या साक्रामेंताक तयार कर्तालीं. दुस्रो दीस काजाराच्या संभ्रमाचो दीस. त्या दिसा माटवांत साडो नेसयताना आनी भांगार घाल्ताना अर्थाभरीत वोवियो म्हणोन होकले नवऱ्याक समजणी, बूदबाळ आनी प्रोत्साह दितालीं.

ಅಧ್ಯಾಯ್ 3. ಕೆನರಾಂತ್ ಕಾತೊಲಿಕ್ ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿ

ಕೊಂಕಣಿ ಸಂಶೋಧಕ್ ಮಾ.ಬಾ. ಪ್ರತಾಪ್ ನಾಯ್ಕ್ ಜೆ.ಸ. ಪರ್ಮಾಣೆಂ ಹಿಂದೂ ಸಮಾಜ್ ತಾಂಚ್ಯಾ ಸಾಮಾಜಿಕ್ ತಶೆಂ ಧಾರ್ಮಿಕ್ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ವೊಪಿಯೊ ಆರಂಭ್ ಜಾಲ್ಯೊ, ಮ್ಹಣ್ತಾ. ಆನಿ ತ್ಯಾ ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಹಿಂದು ದೇವ್ ದೇವತಾಂಚೊ ಉಲ್ಲೇಕ್ ಆಸಾ.

ಪೊರ್ತುಗಿಸಾಂಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಕನ್ವೆರ್ಡ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಕ್ರಿಸ್ಣಾಂವಾಂನಿ ತ್ಯಾ ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಗಣಪತಿ ಅಸ್ಲ್ಲೆಕಡೆ ಜೆಜು ಕೆಲೆಂ. ಸಾಂತ್ ಮಾಯ್ ಕಾಡ್, ರೊಜಾರ್ ಸಾಯ್ಬಿಣ್ ಕೆಲೆಂ. ಹ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ವೊಪಿಯೊ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಶಿಕ್ಷಣ್ ದೀಂವ್ಚೆಂ (ದೊತೊರಿನ್) ಎಕ್ ಹಾತೆರ್ ಜಾಲೆಂ.

ಮಂಗ್ಳುರ್ಚ್ಯಾ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚಿಂ ಪಾಳಾಂ ಗೊಂಯಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಚೆಡುಗೆಂ ಆಟಾವ್ಯಾ ಶೆಕ್ಡ್ಯಾಚ್ಯಾ ತಿರಂಭಾರ್ ಗೊಂಯಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಪ್ರೋಳ್ ಆಯಿಲ್ಲಿ ಕಿಸ್ಣಾಂವ್ ತಾಂಚೆ ಸಾಂಗಾತಾ ಕಂತಾರಾಂ, ಪದಾಂ ಸಂಗಿಂ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ, ವೊಪಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ಘೆವ್ನ್ ಮಂಗ್ಳುರಾಕ್ ಆಯ್ಲೆ ಮ್ಹಣ್ ಚರಿತ್ರಾ ಸಾಂಗ್ತಾ.ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಿಸ್ಣಾಂವ್ ಪರ್ತೇಕ್ ಜಾವ್ನ್ ಕಾಜಾರಾ ಸೊಬಾಣ್ಯಾಂ ಕಾರ್ಯೆಕ್ರಮಾಂನಿ ಸಂದರ್ಭಾನುಸಾರ್ ವೊಪಿಯೊ ರಚುನ್ ಗಾಯಿಲ್ಲಿಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಚರಿತ್ರೆ ಥಾವ್ನ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಕಳ್ತಾ. (ಮೊಗ್ರೆಂ ಕಾರಣ್–ಶ್ರೀ ಪಾವ್ಲ್ ಮೊರಾಸ್ – ಪಾನ್ ಸಂಖ್ಯೊ 258).

ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಂತ್ ಲೊಕ್‌ವೆದ್ ಗೀತ್–ಸಂಗೀತ್ ಪ್ರಮುಖ್ ಪಾತ್ರ್ ಘೆತಾ. ಹಾಂತು ವೊಪಿಯೊ, ವೇರ್ಸ್ ಅಜೂನಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಂಗ್ಳುರ್ಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರ್ ಸೊಬಾಣ್ಯಾಂನಿ ಜಿವಂತ್ ದಿಸ್ತಾ. ಹ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ಆಮ್ಚಿಂ ಕಾಜಾರಾ ಸಾಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ಸೊಬಾಣ್ಯಾಂ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಆಸಾತ್.

ಕೆನರಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಸಮುದಾಯಾಚ್ಯಾ ಸಂಸ್ಕೃತೆಂತ್ ಗಾಯಾನಾಕ್ ವಿಶೇಸ್ ಸ್ಥಾನ್ ಆಸಾ. ವೊಪಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ಹ್ಯಾ ಗಾಯಾನಾಚೊ ಏಕ್ ಅಪ್ರೂಪ್ ಪ್ರಕಾರ್.ಶಿಕಿ ಅಶಿಕಿ, ದುಬ್ಳೊ ಗ್ರೇಸ್, ದಾದ್ಲೊ ಆನಿ ಸ್ತ್ರೀ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಭೇದ್ ನಾಸ್ತಾನಾ ಸಕ್ಡಾಂನಿ ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಹಾಂವ್ಚೆ ತೊಂಡಿ ಸಾಡ್ತ್ ವೊಪಿಯೊ ವೇರ್ಸ್. (ಭಾಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಯ್ಲೊ ವ್ಹೊರ್ – ವೊಪಿಯೊ ವೇರ್ಸಾಂ ಸಂಗ್ರಹಣ್ – ಶ್ರೀಮತಿ ಐರಿನ್ ರೆಬೆಲ್ಲೊ – ಪಾನ್ ಸಂಖ್ಯೊ 16)

ವೊಪಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೆನರಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೊಕಾಚೆಂ ಖಾಶೆಲೆಂಪಣ್. ಹ್ಯಾ ವೊಪಿಯಾಂನಿ ದೇವ್‌ಭಕ್ತ್ ಆಸಾ. ಮರಿಯೆ ಮಾಯೆಕ್, ಸಾಂತಾ ಭಕ್ತಾಂಕ್ ಮಾನ್ ಆಸಾ. ಹೊಕ್ತೆ ನೊವ್ರ್ಯಾಚೆ ವ್ಳಕ್ ದೀಂವ್, ಬೂದ್‌ಬಾಳ್ ಸಾಂಗುಂಕ್, ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಚೊ ಆಶೀರ್ವಾದ್ ಮಾಗೊಂಕ್. ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಕ್ ಗವ್ರವ್ ದೀಂವ್ ಉಲೊ ಹ್ಯಾ ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ತಾ ಹೆರೊಲ್ಡ್ ಡಿಸೋಜಾ ಅಪ್ಲ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಕಾಜಾರಾಂ ಪುಸ್ತಕಾಂತ್ (ಪಾನ್ ಸಂಖ್ಯೊ 24–25).

ಕೆನರಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಿಸ್ಣಾಂವಾಚ್ಯಾ ಲಗ್ನಾ ಸಂಬಂಧಿತ್ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ವೊಪಿಯೊ ಪ್ರಧಾನ್ ಆಕರ್ಷಣ್ ಜಾವ್ನಾಸೊನ್ ಕಾರ್ಯಾಚಿ ಸೊಭಾಯ್ ಚಡಯಾತ್ ಮಾತ್ರ್ ನ್ಹಂಯ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚ್ಯಾ ಗ್ರೇಸ್ತಕಾಯೆಚಿ ವಳಕ್ ಕರ್ನ್ ದಿತಾತ್.ಶಿಕಿ–ಅಶಿಕಿ, ದುಬ್ಳೊ–ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆ ಭೇದ್ ನಾಸ್ತಾನಾಂ ಸಕ್ಡಾಂ ವೊಪಿಯಾಂಕ್ ಮಹತ್ವ್ ದಿತಾತ್.

ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಂಗ್ಳುರಾಂತ್ ಕಾಜಾರಾಂ ಸೊಭಾಣಾಂ ಅಪ್ರೂಪ್ ಆಸ್ಲಿಂ. ಹೊ ವರ್ವಿಂ ಕುಟ್ಮಾಚೆ ಸಾಂದೆ ಆನಿ ಸಯ್ರೆ ಹಪ್ತ್ಯಾ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ ಸಾಂಗಾತಾ ಮೆಳ್ತಾಲಿಂ. ಮಾಟೊವ್ ಘಾಲ್ನ್ ಆರಂಭ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಕಾರ್ಯೆಂ ಪೊರ್ತೆಪಣಾಂತ್ ಸಂಪ್ತಾಲೆಂ. ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಆದ್ಲ್ಯಾ ದಿಸಾ ರೊಸಾಚೆಂ ಕಾರ್ಯೆಂ ಮಾಂಡುನ್ ಹಾಡ್ತಾಲೆ. ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ದಾದ್ಲೆ ಸಗ ಸೊರ್ಗಾರಾಯ್ ಕರ್ಚ್ಯಾಂತ್ ಆನಿ ರಾಂದ್ಪಾಂತ್ ಮಗ್ನ್ ಜಾತಾನಾ ಸ್ತ್ರೀಯೊ ಮಾಗ್ಲೆಂ, ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ಸಾಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ರಂಗಾನ್ ಸೊಭಯಾಲಿಂ.ಮಾಲ್ಘಡಿಂ ಸಯ್ರಿಂ ಧಯಿಂ ಹೊಕ್ತೆ ನವ್ರ್ಯಾಕ್ ಬೂದ್‌ಬಾಳ್ ಸಾಂಗುನ್ ಹ್ಯಾ ಮುಕಾರ್ತ್ ಲಗ್ನಾಚ್ಯಾ ಸಾಕ್ರಾಮೆಂತಾಕ್ ತಯಾರ್ ಕರ್ತಾಲಿಂ.ದುಸೊ ದೀಸ್ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಸಂಭ್ರಮಾಚೊ ದೀಸ್. ತ್ಯಾ ದಿಸಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಸಾಡೊ ನೆಸಯಾನಾ ಆನಿ ಭಾಂಗಾರ್ ಘಾಲ್ನಾ ಅರ್ಥಾಭರಿತ್ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ಹೊಕ್ತೆ ನವ್ರ್ಯಾಕ್ ಸಿಮ್ಮಣಿ, ಬೂದ್‌ಬಾಳ್ ಆನಿ ಪ್ರೋತ್ಸಾಹ್ ದಿತಾಲಿಂ.

अध्याय ४. संशोधाची गर्ज आनी उद्देश

केनरा कोंकणी कातोलीक काजारा सोबाणांनी वोवियांचो वापार अजून जाता तरी म्हाका धोसल्ल्या ह्या सवलांक जवाबी सोधून काडचो निर्वोग आसल्लो.

- अदलो सांसकृतीक महत्व (अव्वलपण) अतांच्या वोवियांनी आसागी?
- आयच्या काजारांच्या काऱ्यांनी भाड्याक वोवियांच्या पंगडाक हाडून, कोवळी वा सिडी वापार्न, पुसतकां पळेवन संसकृती पाळिजाय म्हळ्ळ्या खातीर वोवियो म्हणचें दिसता. आशेंच मुखार गेल्यार, मूळ संसकृती जिवाळ उरात?
- वोवियो रचल्ल्यो तर्नाट्या काजारी जोड्यांक काजारा वेळार बूदबाळ सांगुंक, तांचें वर्णन करुंक, थोडे तमाशे करुंक अनी भावाडताचीं सतां उगडास काडुंक, आमकां मालघड्यां थावन आयिल्लें दायज. पूण प्रसतूत परिस्थिती विद्रूप केल्या तशी दिसता. ही परिस्थिती कशी बदली कऱ्येत?
- कोंकणी भुर्ग्यांक आनी तर्नाट्यांक आजकाल अमचीं ग्रेसत वोवियो संसकृती विस्रोन गेल्या तशें दिसता. तांणीं फकत प्रेक्षक जावन रांवचें आनी आयकोंचें आमकां दिसता. तांचे थंय वोवियांचो मोग आनी महत्व कसो चडंवचो?
- ही ग्रेसत संसकृती आळवोन वचानाशें राकचेखातीर आधुनीक काळाच्या अभिरुची आनी बदलावणेतेकीद होंद्वोण कर्चेखातीर नवे ताळे, नवें आकर्शीत संगीत वापारल्लेवर्वीं मूळ संसकृती ऊरतावगी?

ह्या समस्यांक परिहार सोदून काडुंक आनी अपूर्व कोंकणी संसकृती वोवियो जोगासाणेन रुता करुंक संशोधीक वावर गर्ज आसा. ह्या विशीं संपूर्ण संशोधन कोंकणेंत एदोळ चलल्लें दिसाना तरी थोडें प्रयत्न गोंयांत तशें मंगळुरांत जाल्लें आमकां बरपां मुकांत्र वाचुंक मेळता. ह्या वयल्या सवलांक आनी समस्यांक परिहार सोदून काडचे दिशेन ल्हान प्रयत्न ह्या संशोधीक पुसतकांत केलां.

४.१ ह्या संशोधीक पुसतकाचो उद्देश:

- कोंकणी लोकवेदाचो मूळ जावनासल्ल्या वोवियांची पाटभुंय आनी महत्व समजोंक,
- आदल्या वोवियांक आनी अधुनीक वोवियांक व्यत्यास पार्कुंक,
- वोवियांची आयची परिगत आनी वापार विशलेषण करुंक,
- वोवियो दायज सांबाळून दवर्च्यो वाटो सोदुंक,
- कोंकणी संसकृतेंत वोवियांचो महवत समजोन घेवंक,

ಅಧ್ಯಾಯ್ 4. ಸಂಶೋಧಾಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆನಿ ಉದ್ದೇಶ್

ಕೆನರಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕಾಜಾರಾ ಸೊಬಾಣಾಂನಿ ವೊಪಿಯೊ [illegible] ಅಜೂನ್ ಜಾತಾ ತರೀ ಮ್ಹಾಕಾ ಧೊಸ್ಲ್ಲ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಸವಲಾಂಕ್ ಜವಾಬಿ [illegible] ಸೊಧುನ್ ಕಾಡ್ಚೊ ನಿರ್ವೊಗ್ ಆಸ್ಲ್ಲೊ.

- ಅದ್ಲೊ ಸಾಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ಮಹತ್ವ್ (ಅವ್ವಲ್‌ಪಣ್) ಅತಾಂಚ್ಯಾ ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಆಸಾಗೀ?
- ಆಯ್ಜ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಂಚ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ಭಾಡ್ಯಾಕ್ ವೊಪಿಯಾಂಚ್ಯಾ ಪಂಗ್ಡಾಕ್ ಹಾಡುನ್, ಕೊಪ್ಮಿ ವಾ ಸಿಡಿ ವಾಪಾರ್ನ್, ಪುಸ್ತಕಾಂ ಪಳೆವ್ನ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಪಾಳಿಜಾಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಟೆಂ ದಿಸ್ತಾ. ಅಶೆಂಚ್ ಮುಖಾರ್ ಗೆಲ್ಯಾರ್, ಮೂಳ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಜಿವಾಳ್ ಉರಾತ್?
- ವೊಪಿಯೊ ರಚ್ಲ್ಲ್ಯಾ ತರ್ನಾಟ್ಯಾ ಕಾಜಾರಿ ಜೊಡ್ಯಾಂಕ್ ಕಾಜಾರಾ ವೆಳಾರ್ ಬೂದ್‌ಬಾಳ್ ಸಾಂಗುಂಕ್, ತಾಂಚೆಂ ವರ್ಣನ್ ಕರುಂಕ್, ಥೊಡೆ ತಮಾಶೆ ಕರುಂಕ್ ಅನಿ ಭಾವಾಡ್ತಾಚಿಂ ಸತಾಂ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಕಾಡುಂಕ್, ಆಮ್ಕಾಂ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ದಾಯ್ಜ್. ಪುಣ್ ಪ್ರಸ್ತುತ್ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ವಿದ್ರೂಪ್ ಕೆಲ್ಯಾ ತಶಿ ದಿಸ್ತಾ. ಹಿ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಕಶಿ ಬದ್ಲಿ ಕರ್ಯೆತ್?
- ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ಆನಿ ತರ್ನಾಟ್ಯಾಂಕ್ ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ಅಪ್ಲ್ಯಾಂ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ವೊಪಿಯೊ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ವಿಸ್ರೊನ್ ಗೆಲ್ಯಾ ತಶೆಂ ದಿಸ್ತಾ. ತಾಂಣಿಂ ಫಕತ್ ಪ್ರೇಕ್ಷಕ್ ಜಾವ್ನ್ ರಾಂವ್ಚೆಂ ಆನಿ ಆಯ್ಕೊಂಚೆಂ ಆಮ್ಕಾಂ ದಿಸ್ತಾ. ತಾಂಚೆ ಥಂಯ್ ವೊಪಿಯಾಂಚೊ ಮೋಗ್ ಆನಿ ಮಹತ್ವ್ ಕಸೊ ಚಡಂವ್ಚೊ?
- ಹಿ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಆಳ್ವೊನ್ ವಚಾನಾತೆಂ ರಾಕ್ಚೆಖಾತಿರ್ ಆಧುನಿಕ್ ಕಾಳಾಚ್ಯಾ ಅಭಿರುಚಿ ಆನಿ ಬದ್ಲಾವಣೆತೆಕಿದ್ ಜೊಂದ್ವೊಣ್ ಕರ್ಚೆಖಾತಿರ್ ನವೆ ತಾಳೆ, ನವೆಂ ಆಕರ್ಶಿತ್ ಸಂಗೀತ್ ವಾಪಾರ್ಲ್ಲೆವರ್ವಿಂ ಮೂಳ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಉರ್ತಾಗೀ?

ಹ್ಯಾ ಸಮಸ್ಯಾಂಕ್ ಪರಿಹಾರ್ ಸೊಧುನ್ ಕಾಡುಂಕ್ ಆನಿ ಅಪೂರ್ವ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ವೊವಿಯೊ ಜೊಗಾಸಾಣೆನ್ ರುತಾ ಕರುಂಕ್ ಸಂಶೋಧಿಕ್ ವಾವ್ರ್ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ. ಹ್ಯಾ ವಿಶಿಂ ಸಂಪೂರ್ಣ್ ಸಂಶೋಧನ್ ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಎದೊಳ್ ಚಲ್ಲ್ಲೆಂ ದಿಸಾನಾ ತರೀ ಥೊಡಂ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಗೊಂಯಾಂತ್ ತಶೆಂ ಮಂಗ್ಳುರಾಂತ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಬರ್ಪಾಂ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ವಾಚುಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾ. ಹ್ಯಾ ವಯ್ಲ್ಯಾ ಸವಲಾಂಕ್ ಆನಿ ಸಮಸ್ಯಾಂಕ್ ಪರಿಹಾರ್ ಸೊಧುನ್ ಕಾಡ್ಚೆ ದಿಶೆನ್ ಲ್ಹಾನ್ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಹ್ಯಾ ಸಂಶೋಧಿಕ್ ಪುಸ್ತಕಾಂತ್ ಕೆಲಾಂ.

4.1 ಹ್ಯಾ ಸಂಶೋಧಿಕ್ ಪುಸ್ತಕಾಚೊ ಉದ್ದೇಶ್:

- ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೊಕ್‌ವೆದಾಚೊ ಮೂಳ್ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂಚಿ ಪಾಟ್‌ಭುಂಯ್ ಆನಿ ಮಹತ್ವ್ ಸಮ್ಜೊಂಕ್.
- ಆದ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂಕ್ ಆನಿ ಅಧುನಿಕ್ ವೊವಿಯಾಂಕ್ ವ್ಯತ್ಯಾಸ್ ಪಾರ್ಕುಂಕ್.
- ವೊವಿಯಾಂಚಿ ಆಜ್ಚಿ ಪರಿಗತ್ ಆನಿ ವಾಪಾರ್ ವಿಶ್ಲೇಷಣ್ ಕರುಂಕ್.
- ವೊವಿಯೊ ದಾಯ್ಜ್ ಸಾಂಬಾಳುನ್ ದವರ್ಚ್ಯಾ ವಾಟೊ ಸೊಧುಂಕ್.
- ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಂತ್ ವೊವಿಯಾಂಚೊ ಮಹತ್ವ್ ಸಮ್ಜೊನ್ ಘೆಂವ್ಕ್.

- सांपरदायीक वोवियांक आनी अधुनीक वोवियांक तफावत आसा तर पार्कुंक,
- सांपरदायीक वोवियांचो ताळो (गांवची रीत) आनी आधुनीक काळार वोवियांचो ताळो (गांवची रीत) हांचे मधें व्यत्यास पार्कुंक,
- आयच्या काळार वोवियां संसकृतिची परिगत समजोंक,
- आयच्या काळार आमच्या काजार सोबाणांनी वोवियांचो वापार कसो जाता म्हळ्ळो विमर्सो करुंक,
- नव्यो वोवियो संग्रह करुंक,
- लाभल्ल्या वोवियांचें विशलेषण करुंक,
- वोवियां दायज मुकारी सांबाळन वर्चेखातीर सलहा सूचनां आपणावंक.

४.२ संशोधीक सोदनां करुंक वापारल्ली विधानां

- एदोळ म्हणासर बरपींश रुपीं प्रगट जाल्ल्यो वोवियो सांगाता घाल्ची प्रक्रिया.
- आदल्या काळार काजारावेळीं वोवियांचो वापार कसो जातालो म्हळ्ळी माहेत जोडच्याखातीर विवीध गांवच्या मालघड्यांक आनी तर्नाट्यांक भेटोन संदर्शन घेवन गर्जेची भर्पूर माहेत घेंवची.
- प्रसतूत काळाच्या रोसाच्या माटवांक भेट दीवन वोवियो गांवची रीत, व्यत्यास, विशलेषण करून तेदाखल करचे?.
- प्रसतूत काळार वोवियांविशीं लोकाक समजणी कशी आसा. ह्या संसकृतेचें पालन जाता वा नां ह्या विशीं समजणी जोडुंक समीक्षा कर्न अंकडे सांकडे जमंवचे आनी विशलेषण करचेंत.
- वोवियांविशीं लाभल्ल्या साहित्याचें संग्रहण करनं, विवीध कोंकणी संस्थ्यांच्या पुसतक भंडारांक भेट दीवन पुसतकांचें आध्ययन करन, लाभल्ल्यो सिडी वीकऱ्याक घेवन आयकोंचें आनी विशलेषण करचें?.

- ಸಾಂಪ್ರದಾಯಿಕ್ ವೊವಿಯಾಂಕ್ ಆನಿ ಅಧುನಿಕ್ ವೊವಿಯಾಂಕ್ ತಫಾವತ್ ಆಸಾ ತರ್ ಪಾರ್ಕುಂಕ್,
- ಸಾಂಪ್ರದಾಯಿಕ್ ವೊವಿಯಾಂಚೊ ತಾಳೊ (ಗಾಂವ್ಚಿ ರೀತ್) ಆನಿ ಆಧುನಿಕ್ ಕಾಳಾರ್ ವೊವಿಯಾಂಚೊ ತಾಳೊ (ಗಾಂವ್ಚಿ ರೀತ್) ಹಾಂಚೆ ಮಧೆಂ ವ್ಯತ್ಯಾಸ್ ಪಾರ್ಕುಂಕ್,
- ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚಿ ಪರಿಗತ್ ಸಮ್ಜೊಂಕ್,
- ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರ್ ಸೊಬಾಣಾಂನಿ ವೊವಿಯಾಂಚೊ ವಾಪಾರ್ ಕಸೊ ಜಾತಾ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ವಿಮರ್ಸೊ ಕರುಂಕ್,
- ನವ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಸಂಗ್ರಹ್ ಕರುಂಕ್,
- ಲಾಭ್ಲ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂಚೆಂ ವಿಶ್ಲೇಷಣ್ ಕರುಂಕ್,
- ವೊವಿಯಾಂ ದಾಯ್ಜ್ ಮುಕಾರೀ ಸಾಂಬಾಳ್ನ್ ವರ್ಚೆಖಾತಿರ್ ಸಲಹಾ ಸೂಚನಾಂ ಆಪ್ಣಾಂವ್ಕ್.

4.2 ಸಂಶೋಧಿಕ್ ಸೊದ್ನಾಂ ಕರುಂಕ್ ವಾಪಾರ್ಲ್ಲಿ ವಿಧಾನಾಂ

- ಎದೊಳ್ ಮ್ಹಣಾಸರ್ ಬರ್ಪಾಂ ರುಪಿಂ ಪ್ರಗಟ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಸಾಂಗಾತಾ ಘಾಲ್ಚಿ ಪ್ರಕ್ರಿಯಾ.
- ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಕಾಜಾರಾವೆಳಿಂ ವೊವಿಯಾಂಚೊ ವಾಪಾರ್ ಕಸೊ ಜಾತಾಲೊ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಮಾಹೆತ್ ಜೊಡ್ಚ್ಯಾಖಾತಿರ್ ವಿವಿಧ್ ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಕ್ ಆನಿ ತರ್ನಾಟ್ಯಾಂಕ್ ಭೆಟೊನ್ ಸಂದರ್ಶನ್ ಘೆವ್ನ್ ಗರ್ಜೆಚಿ ಭರ್ಪೂರ್ ಮಾಹೆತ್ ಘೆಂವ್ಚಿ.
- ಪ್ರಸ್ತುತ್ ಕಾಳಾಚ್ಯಾ ರೊಸಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂಕ್ ಭೆಟ್ ದೀವ್ನ್ ವೊವಿಯೊ ಗಾಂವ್ಚಿ ರೀತ್, ವ್ಯತ್ಯಾಸ್, ವಿಶ್ಲೇಷಣ್ ಕರುನ್ ತೆದಾಖಿಲ್ ಕರ್ಚೆ.
- ಪ್ರಸ್ತುತ್ ಕಾಳಾರ್ ವೊವಿಯಾಂವಿಶಿಂ ಲೊಕಾಕ್ ಸಮ್ಜಣಿ ಕಶಿ ಆಸಾ, ಹ್ಯಾ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚೆಂ ಪಾಲನ್ ಜಾತಾ ವಾ ನಾಂ ಹ್ಯಾ ವಿಶಿಂ ಸಮ್ಜಣಿ ಜೊಡುಂಕ್ ಸಮೀಕ್ಷಾ ಕರ್ನ್ ಅಂಕ್ಡೆ ಸಾಂಕ್ಡೆ ಜಮಂವ್ಚೆ ಆನಿ ವಿಶ್ಲೇಷಣ್ ಕರ್ಚೆಂ.
- ವೊವಿಯಾಂವಿಶಿಂ ಲಾಭ್ಲ್ಲ್ಯಾ ಸಾಹಿತ್ಯಾಚೆಂ ಸಂಗ್ರಹಣ್ ಕರ್ನ್, ವಿವಿಧ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಥ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕ್ ಭಂಡಾರಾಂಕ್ ಭೆಟ್ ದೀವ್ನ್ ಪುಸ್ತಕಾಂಚೆಂ ಅಧ್ಯಯನ್ ಕರ್ನ್, ಲಾಭ್ಲ್ಲ್ಯೊ ಸಿಡಿ ಏಕ್ತ್ರ್ಯಾಕ್ ಘೆವ್ನ್ ಆಯ್ಕೊಂಚೆಂ ಆನಿ ವಿಶ್ಲೇಷಣ್ ಕರ್ಚೆಂ.

अध्याय ५. संदर्भातेकीद वापार जांवच्यो वोवियो

वोवियो तोंडा थावन तोंडाक व्हाळोन आयिल्लें आमच्या संसकृतेचें व्हडलें दिर्वे. आमच्या मालघड्यांक शिकाप नातल्लें तरी संसकृतेक ताणीं दिल्लें देणें पळेताना आजाप भोग्ता. ह्ऱ्येका साद्या गावप्यान संदर्भाक, विषयाक सरी जावन आपली जाण्वाय आनी समजणी वापार्न वोवियो घडून गायल्यो आनी आशें वोवियांचें खजान जालें. ह्ऱ्येका साहितीक प्रकाराचेर, वेळाकाळाचो, थळाचो तशेंच धार्मीक, राजकीय, आर्थीक, सामाजीक वाडावळिचो, बदलापाचो प्रभाव पडचो सहज, तशें वोवियां संसकृतिचेरयी हो प्रभाव पडला. अजून वेळाकाळाक, परिस्थितेक सरी जावन वोवियो घडचें दिसोन येता आनी आशें वोवियांचें भंडार वाडोन्‌च येता. आतांच्या काळाक आनी परिस्थितेक सूक्त जावन घडल्ल्यो वोवियो चलावणेक येतात. काजाराच्या ह्ऱ्येका काऱ्याक संबंधीत वोवियो आसात. ह्यो वोवियो वाचून परिशीलन कर्न संदर्भातेकीद ह्या परी वांटून घाल्येत.

१) माटोव घाल्ताना,
२) सांबार काडताना, उजो कर्ताना आनी भाजताना,
३) पेटिचो तांदूळ काडताना,
४) शीत करुंक आदान दवर्ताना,
५) माटवांत वोजीं येताना,
६) माटवांत रांदाप कर्ताना,
७) रोस काडताना,
८) रोसाक बसयताना,
९) कानीं-ताळवेक तेल घाल्ताना,
१०) रोस पुसताना,
११) न्हावंक वेताना,
१२) रेस्पेराक भायर सर्ताना,
१३) साडो भर्ताना,
१४) वोर भितर घेताना,
१५) साडो न्हेसयताना,
१६) पुलां माळताना,
१७) भांगार घाल्ताना,
१८) सोव्यार बसताना,
१९) आयेर कर्ताना, इत्यादी.

५.१ माटोव घाल्ताना वोवियो

काजाराच्या घरा हप्त्या पयलें सेजारयांतक आनी दायज्यांक आपवन माडिये कांब्यांचो आमी कांबियेंचो माटोव घालन ताचेवयर आनी देगांनी इंदाचे ताळे बांदताले.

ಅಧ್ಯಾಯ್ 5. ಸಂದರ್ಭಾತೆಕಿದ್ ವಾಪಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ

ವೊಪಿಯೊ ತೊಂಡಾ ಥಾವ್ನ್ ತೊಂಡಾಕ್ ವ್ಹಾಳೊನ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚೆಂ ವ್ಹಡ್ಲೆಂ ದಿರ್ವೆಂ. ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಕ್ ಶಿಕಾಪ್ ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ ತರೀ ಸಂಸ್ಕೃತೆಕ್ ತಾಣಿಂ ದಿಲ್ಲೆಂ ದೆಣೆಂ ಪಳೆತಾನಾ ಅಜಾಪ್ ಭೊಗ್ತಾ. ಹರ್ಯೆಕಾ ಸಾದ್ಯಾ ಗಾವ್ಡ್ಯಾನ್ ಸಂದರ್ಭಾಕ್, ವಿಷಯಾಕ್ ಸರ ಜಾವ್ನ್ ಆಪ್ಲಿ ಜಾಣ್ವಾಯ್ ಆನಿ ಸಮ್ಜಣಿ ವಾಪಾರ್ನ್ ವೊಪಿಯೊ ಘಡುನ್ ಗಾಯ್ಲ್ಯೊ ಆನಿ ಅಶೆಂ ವೊಪಿಯಾಂಚೆಂ ಖಜಾನ್ ಜಾಲೆಂ. ಹರ್ಯೆಕಾ ಸಾಹಿತಿಕ್ ಪ್ರಕಾರಾಚೆರ್, ವೆಳಾಕಾಳಾಚೊ, ಥಳಾಚೊ ತಶೆಂಚ್ ಧಾರ್ಮಿಕ್, ರಾಜಕೀಯ್, ಆರ್ಥಿಕ್, ಸಾಮಾಜಿಕ್ ವಾಡಾವಳಿಚೊ, ಬದ್ಲಾಪಾಚೊ ಪ್ರಭಾವ್ ಪಡ್ಚೊ ಸಹಜ್, ತಶೆಂ ವೊಪಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚೆರ್ಯೀ ಹೊ ಪ್ರಭಾವ್ ಪಡ್ಲಾ. ಅಜೂನ್ ವೆಳಾಕಾಳಾಕ್, ಪರಿಸ್ಥಿತೆಕ್ ಸರ ಜಾವ್ನ್ ವೊಪಿಯೊ ಘಡ್ಚೆಂ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾ ಆನಿ ಅಶೆಂ ವೊಪಿಯಾಂಚೆಂ ಭಂಡಾರ್ ವಾಡೊನ್‌ಂಚ್ ಯೆತಾ. ಆತಾಂಚ್ಯಾ ಕಾಳಾಕ್ ಆನಿ ಪರಿಸ್ಥಿತೆಕ್ ಸೂಕ್ತ್ ಜಾವ್ನ್ ಘಡ್‌ಲ್ಲ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ಚಲಾವಣೆಕ್ ಯೆತಾತ್. ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಹರ್ಯೆಕಾ ಕಾರ್ಯಾಕ್ ಸಂಬಂಧಿತ್ ವೊಪಿಯೊ ಆಸಾತ್. ಹ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ವಾಚುನ್ ಪರಿಶೀಲನ್ ಕರ್ನ್ ಸಂದರ್ಭಾತೆಕಿದ್ ಹ್ಯಾ ಪರಿ ವಾಂಟುನ್ ಘಾಲ್ಯಾತ್.

1) ಮಾಟೊವ್ ಘಾಲ್ತಾನಾ,
2) ಸಾಂಬಾರ್ ಕಾಡ್ತಾನಾ, ಉಜೊ ಕರ್ತಾನಾ ಆನಿ ಭಾಜ್ತಾನಾ,
3) ಪೆಟೆಚೊ ತಾಂದುಳ್ ಕಾಡ್ತಾನಾ,
4) ಶಿತ್ ಕರುಂಕ್ ಆದಾನ್ ದವರ್ತಾನಾ,
5) ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ವೊಜೆಂ ಯೆತಾನಾ,
6) ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ರಾಂದಾಪ್ ಕರ್ತಾನಾ,
7) ರೋಸ್ ಕಾಡ್ತಾನಾ,
8) ರೊಸಾಕ್ ಬಸಯ್ತಾನಾ,
9) ಕಾನಿಂ–ತಾಳ್ಳೆರ್ ತೇಲ್ ಘಾಲ್ತಾನಾ,
10) ರೋಸ್ ಪುಸ್ತಾನಾ,
11) ನ್ಹಾಂವ್ಕ್ ವೆತಾನಾ,
12) ರೆಸೆರಾಕ್ ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ತಾನಾ,
13) ಸಾಡೊ ಭರ್ತಾನಾ,
14) ವೊರ್ ಭಿತರ್ ಘೆತಾನಾ,
15) ಸಾಡೊ ನ್ಹೆಸಯ್ತಾನಾ,
16) ಫುಲಾಂ ಮಾಳ್ತಾನಾ,
17) ಭಾಂಗಾರ್ ಘಾಲ್ತಾನಾ,
18) ಸೊವ್ಯಾರ್ ಬಸ್ತಾನಾ,
19) ಆಯೆರ್ ಕರ್ತಾನಾ, ಇತ್ಯಾದಿ.

5.1 ಮಾಟೊವ್ ಘಾಲ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಹಪ್ತ್ಯಾ ಪಯ್ಲೆಂ ಸೆಜಾರ್ಯಾಂಕ್ ಆನಿ ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್ ಆಪವ್ನ್ ಮಾಡಿಯೆ ಕಾಂಬ್ಯಾಂಚೊ ಆನಿ ಕಾಂಬಿಯೆಂಚೊ ಮಾಟೊವ್ ಘಾಲ್ನ್ ತಾಚೆವಯ್ರ್ ಆನಿ ದೆಗಾಂನಿ ಇಂದಾಚೆ ತಾಳೆ ಬಾಂದ್ತಾಲೆ.

हें माटव घाल्चें काम वाड्यागारां आनी दायजी मेळोन हप्त्या पयलेंच संपयतालीं. ह्या वेळार म्हणच्यो वोवियो हे परी आसात.

१) बापूय ना म्हण होकले नाका करुंक चिंता, फुला सांगडो मान तुका भाव दिता.
२) माटव झाडून उडयला कोयर, सां जुजेन दिलां धयर आमचा येज्मानीक.
३) माटव घाला नोव्या माडियांचो, आटव करा आज तुमच्या पुर्वजांचो.

५.२ सांबार काडताना, उजो कर्ताना आनी भाजताना वोवियो

काजाराच्या कार्‍याक सैरीं – धैरीं, कुटमादारां काजाराच्या हप्त्या आदिंच कुटमा समेत काजाराच्या घरा पावतालीं. आशें काजाराक तयाराय जायत्या दिसां आदिंच आरंभ जाताली. रोसाचें, काजाराचें जेवाण तयार करुंक जाय पडचो सांबार जायत्या दिसां फुडेंच तयार जातालो. दायजी, सेजारी, कुटमादारां एका मनान कार्‍याक आधार्सितालीं. पियाव, लोसूण, नारल अनी हेर सांबार भाजून, सुकवन, कांडून ताका गोड घालन कंड्यानीं भर्न दवर्चें आसल्लें. ह्या सांबाराच्या पिठ्याक 'कोर्पो' म्हणताले. कोर्पो कुवाळ्याचो पोळव करुंक, चणे सुके करुंक वापार्ताले. कोर्पो तयार कर्ताना सुर्वेर थावन आखेर पर्‍यांत स्त्रीयो वोवियो म्हणोन आर्थाभरीत थरान हें काम चलवन वर्तालीं. ह्या वेळार म्हणच्यो वोवियो आश्यो आसात.

४) देवाबापा, देवापुता, देवास्पिरीत सांता, कुर्पेच्या दिसा येज्मान सांबार काडता.
५) देवाबापान केली सयरीक आंज भडवो मालो, पवित्र आत्मो आयलो, ह्यायी सांबारालागीं.
६) ह्यावी माटवांत कितें तेसांव, दीगे माये बेसांव ह्या सांबाराक.
७) आमचा हितलांत बांदिला बोयल, दवारा कायल आतां सांबाराक.
८) आयच्या मटवांत येज्मानिची सजवण, नवी येवजण केल्या आयच्या सांबाराक.
९) येज्मान्या आमचा बाबा पंडिता, तुज्या घरा कांडता सळ–दाळ.
१०) रांदपिणिच्या हातांक, भांगाराची कांकणां, चार दवर लांकडां, येज्मानी रांदणीक.
११) रोस्याचे रांदणीक लायला मोटो सोंटो, माळ्यार आसा हांडो सात हाताळ्यांचो.
१२) रोस्याचे रांदणीक दवरात मोटो सोंटो, अर्धो दवरात वांटो भयणिच्या वांट्याक.
१३) रोस्याच्या रांदणीक लाया तरी सोंटो, अर्धो उरया वांटो भावाच्या काजाराक.
१४) सूर्‍याचो उज्वाड माटवांत पिळिपिळी तिळता, सांबाराचो पर्मळ सगळ्यान प्रसारिला.
१५) रोस्याचे रांदणीर भाजात घाला मेल्गोर, आकाशीं पर्मळ जीरयाळ सांबाराचो.
१६) घर्च्या आंगणांत स्वाद मोगर्‍या शिंवत्यांचो, माटवांत भरला पर्मोळ जीरयां सांबाराचो.
१७) रोश्याचे रांदणिंत भरला गोबोर, मांय जब्बोर व्हकले सांबाळन व्हर.
१८) दोनपारा जेवणाक रांदला पोणसा गुजो, मोगाचो आजो व्हकले गांवांत ऊरलोर.
१९) दोनपारा जेवणाक रांदल्या देंव्या भाजी, मोगाची आजी, व्हकले गांवांत ऊरली?

ಹೆಂ ಮಾಟವ್ ಘಾಲ್ತೆಂ ಕಾಮ್ ವಾಡ್ತ್ಯಾಗಾರಾಂ ಆನಿ ದಾಯ್ಜಿ ಮೆಳೊನ್ ಹಪ್ತ್ಯಾ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ ಸಂಪಯ್ತಾಲಿಂ. ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ ಹೆ ಪರಿ ಆಸಾತ್.

1) ಬಾಪ್ಪುಯ್ ನಾ ಮ್ಹಣ್ ಹೊಕ್ಲೆ ನಾಕಾ ಕರುಂಕ್ ಚಿಂತಾ, ಫುಲಾ ಸಾಂಗ್ಡೊ ಮಾನ್ ತುಕಾ ಭಾವ್ ದಿತಾ.
2) ಮಾಟವ್ ಝಾಡುನ್ ಉಡಯ್ಲ್ಲಾ ಕೊಯ್ರ್, ಸಾಂ ಜುಜೆನ್ ದಿಲಾಂ ಧಯ್ರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಯೆಜ್ಮಾನಿಕ್.
3) ಮಾಟವ್ ಘಾಲಾ ನೊವ್ಯಾ ಮಾಡಿಯಾಂಚೊ, ಆಟವ್ ಕರಾ ಆಜ್ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಪುರ್ವಜಾಂಚೊ.

5.2 ಸಾಂಬಾರ್ ಕಾಡ್ತಾನಾ, ಉಜೊ ಕರ್ತಾನಾ ಆನಿ ಭಾಜ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಾಕ್ ಸೈರಿಂ – ಧೈರಿಂ, ಕುಟ್ಮಾದಾರಾಂ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಹಪ್ತ್ಯಾ ಆದಿಂಚ್ ಕುಟ್ಮಾ ಸಮೇತ್ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಪಾವ್ತಾಲಿಂ. ಅಶೆಂ ಕಾಜಾರಾಕ್ ತಯಾರಾಯ್ ಜಾಯ್ತ್ಯಾ ದಿಸಾಂ ಆದಿಂಚ್ ಆರಂಭ್ ಜಾತಾಲಿ. ರೊಸಾಚೆಂ, ಕಾಜಾರಾಚೆಂ ಜೆವಾಣ್ ತಯಾರ್ ಕರುಂಕ್ ಜಾಯ್ ಪಡ್ಚೊ ಸಾಂಬಾರ್ ಜಾಯ್ತ್ಯಾ ದಿಸಾಂ ಫುಡೆಂಚ್ ತಯಾರ್ ಜಾತಾಲೊ. ದಾಯ್ಜಿ, ಸೆಜಾರಿ, ಕುಟ್ಮಾದಾರಾಂ ಎಕಾ ಮನಾನ್ ಕಾರ್ಯಾಕ್ ಆಧಾರ್ಸಿತಾಲಿಂ. ಮಿರಿಯಾಂವ್, ಲೊಸುಣ್, ನಾರ್ಲ್ ಅನಿ ಹೆರ್ ಸಾಂಬಾರ್ ಭಾಜುನ್, ಸುಕವ್ನ್, ಕಾಂಡುನ್ ತಾಕಾ ಗೋಡ್ ಘಾಲ್ನ್ ಕಂಡರ್ಯಾನಿಂ ಭರ್ನ್ ದವರ್ಚೆಂ ಆಸ್ಲ್ಲೆಂ. ಹ್ಯಾ ಸಾಂಬಾರಾಚ್ಯಾ ಪಿಟ್ಯಾಕ್ 'ಕೊಪೊರ್' ಮ್ಹಣ್ತಾಲೆ. ಕೊಪೊರ್ ಕುವಾಳ್ಯಾಚೊ ಪೊಳವ್ ಕರುಂಕ್, ಚಣೆ ಸುಕೆ ಕರುಂಕ್ ವಾಪಾರ್ತಾಲೆ. ಕೊಪೊರ್ ತಯಾರ್ ಕರ್ತಾನಾ ಸುರ್ವೆರ್ ಥಾವ್ನ್ ಅಖೇರ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಸ್ತ್ರೀಯೊ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ಅರ್ಥಾಭರಿತ್ ಥರಾನ್ ಹೆಂ ಕಾಮ್ ಚಲವ್ನ್ ವರ್ತಾಲಿಂ. ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ ಅಶ್ಯೊ ಆಸಾತ್.

4) ದೆವಾಬಾಪಾ, ದೆವಾಪುತಾ, ದೆವಾಸ್ಪಿರಿತ್ ಸಾಂತಾ, ಕುರ್ಪೆಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಸಾಂಬಾರ್ ಕಾಡ್ತಾ.
5) ದೆವಾಬಾಪಾನ್ ಕೆಲಿ ಸಯ್ರಿಕ್ ಆಂಜ್ ಭಡ್ವೊ ಮಾಲೊ, ಪವಿತ್ರ್ ಆತ್ಮೊ ಆಯ್ಲೊ, ಹ್ಯಾಯಿ ಸಾಂಬಾರಾಲಾಗಿಂ.
6) ಹ್ಯಾವಿ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಕಿತೆಂ ತೆಸಾಂವ್, ದೀಗೆ ಮಾಯೆ ಬೆಸಾಂವ್ ಹ್ಯಾ ಸಾಂಬಾರಾಕ್.
7) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹಿತ್ಲಾಂತ್ ಬಾಂದಿಲಾ ಬೊಯ್ಲ್, ದವಾರಾ ಕಾಯ್ಲ್ ಆತಾಂ ಸಾಂಬಾರಾಕ್.
8) ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಮಟ್ವಾಂತ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿಚೆ ಸಜವ್ಣ್, ನವಿ ಯೆವ್ಜಣ್ ಕೆಲ್ಯಾ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಸಾಂಬಾರಾಕ್.
9) ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಬಾಬಾ ಪಂಡಿತಾ, ತುಜ್ಯಾ ಘರಾ ಕಾಂಡತಾ ಸಳ್–ದಾಳ್.
10) ರಾಂದ್ಪಿಣಿಚ್ಯಾ ಹಾತಾಂಕ್, ಭಾಂಗಾರಾಚೆ ಕಾಂಕ್ಣಾಂ, ಚಾರ್ ದವರ್ ಲಾಂಕ್ತಾಂ, ಯೆಜ್ಮಾನಿ ರಾಂದ್ಣಿಕ್.
11) ರೊಸ್ಯಾಚೆ ರಾಂದ್ಣಿಕ್ ಲಾಯ್ಲ್ಲಾ ಮೊಟೊ ಸೊಂಟೊ, ಮಾಳ್ಯಾರ್ ಆಸಾ ಹಾಂಡೊ ಸಾತ್ ಹಾತಾಳ್ಯಾಂಚೊ.
12) ರೊಸ್ಯಾಚೆ ರಾಂದ್ಣಿಕ್ ದವರಾತ್ ಮೊಟೊ ಸೊಂಟೊ, ಅರ್ಧೊ ದವರಾತ್ ವಾಂಟೊ ಭಯ್ಣಿಚ್ಯಾ ವಾಂಟ್ಯಾಕ್.
13) ರೊಸ್ಯಾಚ್ಯಾ ರಾಂದ್ಣಿಕ್ ಲಾಯಾ ತರಿ ಸೊಂಟೊ, ಅರ್ಧೊ ಉರಯಾ ವಾಂಟೊ ಭಾವಾಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್.
14) ಸುರ್ಯಾಚೊ ಉಜ್ವಾಡ್ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಪಿಳಿಪಿಳಿ ತಿಳ್ತಾ, ಸಾಂಬಾರಾಚೊ ಪರ್ಮಳ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾನ್ ಪ್ರಸಾರಿಲಾ.
15) ರೊಸ್ಯಾಚೆ ರಾಂದ್ಣಿರ್ ಭಾಜಾತ್ ಘಾಲಾ ಮೇಲ್ಗೊರ್, ಆಕಾಶಿಂ ಪರ್ಮಳ್ ಜಿರ್‍ಯಾ ಸಾಂಬಾರಾಚೊ.
16) ಘರ್ಚ್ಯಾ ಆಂಗ್ಣಾಂತ್ ಸ್ವಾದ್ ಮೊಗ್ರ್ಯಾ ಶಿಂವ್ತ್ಯಾಂಚೊ, ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಭರ್ಲಾ ಪರ್ಮೊಳ್ ಜಿರ್‍ಯಾ ಸಾಂಬಾರಾಚೊ.
17) ರೊಶ್ಯಾಚೆ ರಾಂದ್ಣಿಂತ್ ಭರ್ಲಾ ಗೊಬೊರ್, ಮಾಂಯ್ ಜಬ್ಬೊರ್ ವ್ಹಳ್ಕೆ ಸಾಂಬಾಳ್ನ್ ವ್ಹರ್.
18) ದೊನ್ಪಾರಾ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ರಾಂದ್ಲಾ ಪೊಣ್ಸಾ ಗುಜೊ, ಮೊಗಾಚೊ ಆಜೊ ವ್ಹಳ್ಕೆ ಗಾಂವಾಂತ್ ಉರ್ಲೊ.
19) ದೊನ್ಪಾರಾ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ರಾಂದ್ಲ್ಯಾ ದೆಂಟ್ಯಾ ಭಾಜಿ, ಮೊಗಾಚೆ ಆಜಿ, ವ್ಹಳ್ಕೆ ಗಾಂವಾಂತ್ ಉರ್ಲಿ.

५.३ पेटिचो तांदूळ काडताना वोवियो

आमचे मालघडे कृषी प्रधान व्याप्तेचे जावनासल्ले. तांदूळ तांची अवश्य खाणावर्वी जावनासोन, भावनात्मक तशें दैवीक मनोभावाची वसत. देकून काजारा सोबाणा दिसा विशेस मान पेटेंतलो तांदूळ काडताना दिताले. काजाराक म्हण येंवच्या दायज्यांक, सयऱ्यांक, कुटमाच्यांक सुधार्सुंक तशेंच रोसा काऱ्याच्या जेवणाक शीत तयार करुंक पेटी थावन तांदूळ काडतालीं. मालघड्यांच्या जीवनांत तांदळाक दिल्लो महत्व ह्या संदर्भार गांवच्या वोवियां मारिफात कळता.

२०) पेट कर्च्या येज्मानी काड सांताखुर्साची खुरू, समेसत पर्जेक पावोन पेटी आधीक ऊर.
२१) पेटीच केल्या नेंटे येज्मानीन, जांटे सोमिणी तिची जतन कर.
२२) पेटीच केल्या उकडिगी सेव, माटवीं आयला देव पेटीक बेसांव दिवंक.
२३) पेटीच केल्या उकडी सुरेखाल, माय येता माल पेटीक बेसांव दिवंक.
२४) जेजू-माय येता सामक्या दार्वाठ्यान, तांच्या भर्वश्यान येज्मानीन पेटी केल्या.
२५) जेरुजल्या शेरा कराडगी तण, जेजून दाडलां मेण माटवा उज्वाडाक.
२६) रोजारी माये पांयांक तुज्या पांयजणां, साट तिनशीं आयदानां ह्यायी पेटिलागीं.
२७) हाड्या निसण, काड्यांमी मुडे, सां. जुजे बाप येता फुडें पेटीक बेसांव दीवंक.
२८) घर्च्या आंगणांत फुल्ल्यात पर्मळीक कळे, पेटी कर्चे येज्मानी उटोन भायर पळे.
२९) पेटीच केल्या धाराळ मापान, उदार मनान घर्च्या येज्मानीन.
३०) कोयर काडन उडयिले जरले, साट सत्तर व्होवळे ह्यायी पेटिलागीं.

५.४ शीत करुंक आदान दवर्ताना वोवियो

रोसाचें, काजाराचें जेवाण तयार करुंक एक प्रत्येक सुवात आसताली. आनी ताका 'रोसो' म्हणतालीं. हो सब्द हिंदेंत 'रसोयी' म्हणजे 'रांदपाकूड' म्हळ्ळ्या सब्दा थावन घेतला जाव्येत. रोस्यांत दायजी, कुटमाचीं, सैरीं धैरीं सांगाता मेळोन व्हडा संभ्रमान जेवाण तयार कर्तालीं. रोसाच्या तशें काजाराच्या जेवणाक शीत करुंक रांदणीक उजो कर्ताना आनी शिताक आदान दवर्ताना आर्थाभरीत वोवियो गांवच्या मारिफात आमची मालघडीं आमी चिल्लर म्हण चिंतच्या कामाकी महत्व दितालीं म्हळ्ळें कळोन येता.

३१) देवा बापा, देवा पुत्रा, देवा स्पिरीत सांता, कुर्पेच्या दिसा येज्मान आदान दवर्ता.
३२) सर्गिंच्या बापा आयक तूं आमचें मागणें, येज्मानिच्या आदनाक जालां कितें उणें.
३३) सोमिणिच्या कुरोवा भांगाराची सरी, दायज्यांक काणघेवन येज्मान आदान दवरी.
३४) मरिये आमचे माये घे तूं आमचें तेसांव, येज्मानिच्या आदनाचेर घाल तुजें बेसांव.
३५) रोस्याचे रांदणीक उदकाचें आदान, मरी कर्ता रुदान अपल्या पुत्रालागीं.
३६) वोर्नाच्या मांड्याक धांपलो बावाडो, लागीं मांवाडो व्हरेता सदां वचानाका.
३७) आमच्या माटवांत दायजां जम्ल्यांत जायतीं, तांचे मधें येज्मान आमची आदान दवरी.

5.3 ಪೆಟಚೊ ತಾಂದುಳ್ ಕಾಡ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ಆಮ್ಚೆ ಮಾಲ್ಘಡೆ ಕೃಷಿ ಪ್ರಧಾನ್ ವ್ಯಾಪ್ತೆಚೆ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೆ. ತಾಂದುಳ್ ತಾಂಚಿ ಅವಶ್ಯ್ ಖಾಣಾವರ್ಪಿ ಜಾವ್ನಾಸೊನ್, ಭಾವನಾತ್ಮಕ್ ತಶೆಂ ದೈವಿಕ್ ಮನೋಭಾವಾಚಿ ವಸ್ತ್. ದೆಕುನ್ ಕಾಜಾರಾ ಸೊಬಾಣಾ ದಿಸಾ ವಿಶೇಸ್ ಮಾನ್ ಪೆಟಾಂತ್ಲೊ ತಾಂದುಳ್ ಕಾಡ್ತಾನಾ ದಿತಾಲೆ. ಕಾಜಾರಾಕ್ ಮ್ಹಣ್ ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್, ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್, ಕುಟ್ಮಾಚ್ಯಾಂಕ್ ಸುಧಾರ್ಸುಂಕ್ ತಶೆಂಚ್ ರೊಸಾ ಕಾರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ಶಿತ್ ತಯಾರ್ ಕರುಂಕ್ ಪೆಟ ಥಾವ್ನ್ ತಾಂದುಳ್ ಕಾಡ್ತಾಲಿಂ. ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಜೀವನಾಂತ್ ತಾಂದ್ಳಾಕ್ ದಿಲ್ಲೊ ಮಹತ್ವ್ ಹ್ಯಾ ಸಂದರ್ಭಾರ್ ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂ ಮಾರಿಫಾತ್ ಕಳ್ತಾ.

20) ಪೇಟ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಕಾಡ್ ಸಾಂತಾಖುರ್ಸಾಚಿ ಖುರು, ಸಮೆಸ್ತ್ ಪರ್ಜೆಕ್ ಪಾವ್ರೊನ್ ಪೆಟಿ ಆಧಿಕ್ ಉರಾ್.
21) ಪೆಟಿಚ್ ಕೆಲ್ಯಾ ನೆಂಟೆ ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್, ಜಾಂಟೆ ಸೊಮಿಣಿ ತಿಚಿ ಜತನ್ ಕರ್.
22) ಪೆಟಿಚ್ ಕೆಲ್ಯಾ ಉಕ್ಡಿಗೀ ಸೆವ್, ಮಾಟ್ವಿಂ ಆಯ್ಲ್ಯಾ ದೇವ್ ಪೆಟಿಕ್ ಬೆಸಾಂವ್ ದಿಂವ್ಕ್.
23) ಪೆಟಿಚ್ ಕೆಲ್ಯಾ ಉಕ್ಡೀ ಸುರೇಖಾಲ್, ಮಾಯ್ ಯೆತಾ ಮಾಲ್ ಪೆಟಿಕ್ ಬೆಸಾಂವ್ ದಿಂವ್ಕ್.
24) ಜೆಜು–ಮಾಯ್ ಯೆತಾ ಸಾಮ್ಕ್ಯಾ ದಾರ್ವಾಟ್ಯಾನ್, ತಾಂಚ್ಯಾ ಭರ್ವಶ್ಯಾನ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್ ಪೆಟಿ ಕೆಲ್ಯಾ.
25) ಜೆರುಜಲ್ಯಾ ಶಿರಾ ಕರಾಡ್‌ಗಿ ತಣ್, ಜೆಜುನ್ ದಾಡ್ಲಾಂ ಮೆಣ್ ಮಾಟ್ವಾ ಉಜ್ವಾಡಾಕ್.
26) ರೊಜಾರಿ ಮಾಯೆ ಪಾಂಯಾಂಕ್ ತುಜ್ಯಾ ಪಾಂಯ್ಜಣಾಂ, ಸಾಟ್ ತಿಸ್ಕಿಂ ಆಯ್ದಾನಾಂ ಹ್ಯಾಯಿ ಪೆಟಿಲಾಗಿಂ.
27) ಹಾಡ್ಯಾ ನಿಸಣ್, ಕಾಡ್ಯಾಂಮಿ ಮುಡೆ. ಸಾಂ. ಜುಜೆ ಬಾಪ್ ಯೆತಾ ಫುಡೆಂ ಪೆಟಿಕ್ ಬೆಸಾಂವ್ ದೀಂವ್ಕ್.
28) ಘರ್ಚ್ಯಾ ಆಂಗ್ಣಾಂತ್ ಫುಲ್ಲ್ಯಾತ್ ಪರ್ಮಳಿಕ್ ಕಳೆ, ಪೆಟಿ ಕರ್ಚೆ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಉಟೊನ್ ಭಾಯ್ರ್ ಪಳೆ.
29) ಪೆಟಿಚ್ ಕೆಲ್ಯಾ ಧಾರಾಳ್ ಮಾಪಾನ್, ಉದಾರ್ ಮನಾನ್ ಘರ್ಚ್ಯಾ ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್.
30) ಕೊಯ್ರ್ ಕಾಡ್ನ್ ಉಡಯಿಲೆ ಜರ್ಲೆ, ಸಾಟ್ ಸತ್ತರ್ ವ್ಹೊವ್ಹೆ ಹ್ಯಾಯಿ ಪೆಟಿಲಾಗಿಂ.

5.4 ಶಿತ್ ಕರುಂಕ್ ಆದಾನ್ ದವರ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ರೊಸಾಚೆಂ, ಕಾಜಾರಾಚೆಂ ಜೆವಾಣ್ ತಯಾರ್ ಕರುಂಕ್ ಏಕ್ ಪ್ರತ್ಯೇಕ್ ಸುವಾತ್ ಆಸ್ತಾಲಿ. ಆನಿ ತಾಕಾ 'ರೊಸೊ' ಮ್ಹಣ್ತಾಲಿಂ. ಹೊ ಸಬ್ದ್ ಹಿಂದೆಂತ್ 'ರಸೋಯಿ' ಮ್ಹಣ್ಚೆ 'ರಾಂದ್ಪಾಕೂಡ್' ಮ್ಹಳ್ಯಾ ಸಬ್ದಾ ಥಾವ್ನ್ ಘೆತ್ಲಾ ಜಾವ್ಯೆತ್. ರೊಸ್ಯಾಂತ್ ದಾಯ್ಜಿ, ಕುಟ್ಮಾಚಿಂ, ಸೈರಿಂ ಧೈರಿಂ ಸಾಂಗಾತಾ ಮೆಳೊನ್ ವ್ಹಡಾ ಸಂಭ್ರಮಾನ್ ಜೆವಾಣ್ ತಯಾರ್ ಕರ್ತಾಲಿಂ. ರೊಸಾಚ್ಯಾ ತಶೆಂ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ಶಿತ್ ಕರುಂಕ್ ರಾಂದ್ಣಿಕ್ ಉಜೊ ಕರ್ತಾನಾ ಆನಿ ಶಿತಾಕ್ ಆದಾನ್ ದವರ್ತಾನಾ ಅರ್ಥಾಭರಿತ್ ವೋವಿಯೊ ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ. ಮಾರಿಫಾತ್ ಆಮ್ಚಿ ಮಾಲ್ಘಡಿಂ ಆಮಿ ಜೆಲ್ಲಿರ್ ಮ್ಹಣ್ ಚಿಂತ್ಚ್ಯಾ ಕಾಮಾಕೀ ಮಹತ್ವ್ ದಿತಾಲಿಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಕಳೊನ್ ಯೆತಾ.

31) ದೆವಾ ಬಾಪಾ, ದೆವಾ ಪುತ್ರಾ, ದೆವಾ ಸ್ಪಿರಿತ್ ಸಾಂತಾ, ಕುರ್ಪೆಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಆದಾನ್ ದವರ್ತಾ.
32) ಸರ್ಗಿಂಚ್ಯಾ ಬಾಪಾ ಆಯ್ಕ್ ತುಂ ಆಮ್ಚೆಂ ಮಾಗ್ಣಂ, ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಆದ್ನಾಕ್ ಜಾಲಾಂ ಕಿತೆಂ ಉಣೆಂ.
33) ಸೊಮಿಣಿಚ್ಯಾ ಕುರೊವಾ ಭಾಂಗಾರಾಚೆ ಸರಿ, ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್ ಕಾಣ್ಘೆವ್ನ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಆದಾನ್ ದವ್ರಿ.
34) ಮರಿಯೆ ಆಮ್ಚೆ ಮಾಯೆ ಘೆ ತುಂ ಆಮ್ಚೆಂ ತೆಸಾಂವ್, ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಆದ್ನಾಚೆರ್ ಘಾಲ್ ತುಜೆಂ ಬೆಸಾಂವ್.
35) ರೊಸ್ಯಾಚೆ ರಾಂದ್ಣಿಕ್ ಉದ್ಕಾಚೆಂ ಆದಾನ್, ಮರಿ ಕರ್ತಾ ರುದಾನ್ ಅಪ್ಲ್ಯಾ ಪುತ್ರಾಲಾಗಿಂ.
36) ವೊರ್ನಾಚ್ಯಾ ಮಾಂಡ್ಯಾಕ್ ಧಾಂಪ್ಲೊ ಬಾವಾಡೊ, ಲಾಗಿಂ ಮಾಂವಾಡೊ ವ್ಹರೆತಾ ಸದಾಂ ವಚಾನಾಕಾ.
37) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ದಾಯ್ಜಾಂ ಜಮ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಜಾಯ್ತಿಂ, ತಾಂಚೆ ಮಧೆಂ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಆಮ್ಚಿ ಆದಾನ್ ದವ್ರಿ.

३८) येज्मानिच्या हातांत भांगाराचीं कांकणां, दवर लांकडां येज्मानी रांदनीक.
३९) दोनपारांच्या जेवणाक निसत्याक कितें देंटो, हांगा येया वोवळ्यांनो रांदणीक दवरा सोंटो.
४०) आमच्या वोडतांत पुल्ल्यो त्यो लिल्ल्यो, वांटून दी कुंडल्यो येज्मानी दायज्यांक.
४१) जार्द्या महिन्यांत कुमेरिंत फुल्लो गोंडो, चडया हांडो आतां रांदणेर.
४२) रोस्यांचे रांदणीक दवरा ते दांडे, चडया हांडे आतां आदनाक.
४३) दोनपारांच्या जेवणाक निसत्याक कितें गुजो, दायज्यांक आपवन येज्मानी कर उजो.
४४) रोस्यांच्ये रांदणी कट्ट्यांचो फोग, विस्रोनाका मोग तुज्ये आवयिचो.
४५) रोस्यांच्ये रांदणी लायलीं शिर्पुटां, वयर पडलीं हाडकुटां होकले आवयिचीं.

५.५ माटवांत वोजीं येतानां वोवियो

आदीं काजाराच्या खर्चाक जाय पडच्यो वसतू वोज्यां रुपार काजाराच्या घरा येवन पावताल्यो. दायजी, बापले, मावळे, घर्चे जांवंय वोजीं हाडन येताले. वोज्यां रुपार तांदळाचे मुडे, बोंडे, नारल, घडाय, कुवाळे, शिरोत्यो, रांद्वय, दुकोर सैत संभ्रमीक रितीन वोज्यांनी पुर्शांवा रुपार काजाराच्या माटवाक बेंडा व्हाजपार हाडन येताले. वोजीं माटवांत हाडताना आनी घर्चो येज्मानी तांकां फावोतो मान दीवन तीं वोजीं घेताना अर्थाभरीत वोवियो म्हणोन ह्या काऱ्याचो संभ्रम आमचीं मालघडीं पाचार्तालीं.

४६) घाटाचे बोयल देवोंदीत सकला, सांबाराच्यो गोणियो आता येंव घरा.
४७) आम्साण मिर्सांग वाटुंक आसा वान, दोडतो दी मान येज्मान्या जांव्याक तुज्या.
४८) ह्यावी माटवाक येतात कितें वोजीं, येतात शेंभर येज्मानी तुज्या दायज्यांगेलीं.
४९) केस काडन केलश्यान घालो वाकोर, वोज्यार हाडला दुकोर येज्मान्या मिवण्यान तुजा.
५०) दायजी, जांवंय हाडन आयल्यात घडाय, नारल, शिरोत्यो, कोरोल्यांक घेवन मुकार ये येज्मान्या आतां घेवंक त्यो.
५१) येज्मान्याचो माटोव बांदला सुंबांनी, धुवे जांव्यांचीं वोजीं आयलीं बेंडा वाजपानीं.
५२) भांगार तुकून दिलां येज्मानीन केंपा वज्राचीं मुद्यां, कूसल्लीं दुद्यां ह्यायी वोजां वयर.
५३) नारलेल तेलाक काप्साची वात, भायल्यान जाली रात वोवळीं झ्मेतात.
५४) टिप्पूक आनी इंगलेजांक जाली ती लडाय, बंगाळे घडाय ह्यावी वोज्यांचेर.

५.६ माटवांत रांदाप कर्ताना वोवियो

रोसाच्या जेवणाक कुवाळ्याचो 'पोळव' कर्ची रिवाज आमच्या मालघड्यांची. ही रिवाज आतांयी चालू आसा. कुवाळ्याच्या पोळवाक बोकऱ्यामास वा गांलबो भर्सुंचें आसा. काजाराच्या आनी काजाराक संबंधीत काऱ्यांनी दायज्यांक एक विशेष स्थान आसल्लें. कुवाळो कात्रुंक जांव, आदान दवरुंक जांव, दायज्यांक पयलें हक्क बांदतालें. दायज्या सांगाता कुटमाचीं सेज-सांबाराचीं, वाड्याचीं सांगाता मेळोन कुवाळो शिंदतालीं. आमचीं मालघडीं भोव उरबेन, फावोत्या रितीन, संभ्रमान तें काम कर्तालीं म्हळ्ळें सत वोवियां द्वारीं आमकां कळता.

38) ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ ಭಾಂಗಾರಾಚಿಂ ಕಾಂಕ್ಣಾಂ, ದವರ್ ಲಾಂಕ್ಡಾಂ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ರಾಂದ್ನಿಕ್.
39) ದೊಸ್ಪಾರಾಂಚ್ಯಾ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ನಿಸ್ತ್ಯಾಕ್ ಕಿತೆಂ ದೆಂಟೊ, ಹಾಂಗಾ ಯೆಯಾ ವೊವ್ಯಾಂನೊ ರಾಂದ್ನಿಕ್ ದವರಾ ಸೊಂಟೊ.
40) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವೊಡ್ತಾಂತ್ ಪುಲ್ಲ್ಯೊ ತ್ಯೊ ಲಿಲ್ಲ್ಯೊ, ವಾಂಟುನ್ ದೀ ಕುಂಡ್ಲ್ಯೊ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್.
41) ಜಾರ್ದ್ಯಾ ಮಹಿನ್ಯಾಂತ್ ಕುಮೆರಿಂತ್ ಫುಲ್ಲೊ ಗೊಂಡೊ, ಚಡಯಾ ಹಾಂಡೊ ಆತಾಂ ರಾಂದ್ಣೆರ್.
42) ರೊಸ್ಯಾಂಚೆ ರಾಂದ್ನಿಕ್ ದವರಾ ತೆ ದಾಂಡೆ, ಚಡಯಾ ಹಾಂಡೆ ಆತಾಂ ಆದ್ನಾಕ್.
43) ದೊಸ್ಪಾರಾಂಚ್ಯಾ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ನಿಸ್ತ್ಯಾಕ್ ಕಿತೆಂ ಗುಜೊ, ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್ ಆಪವ್ನ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಕರ್ ಉಜೊ.
44) ರೊಸ್ಯಾಂಚ್ಯೆ ರಾಂದ್ಣಿ ಕಟ್ಯಾಂಚೊ ಪೊಗ್, ವಿಸ್ರೊನಾಕಾ ಮೋಗ್ ತುಜ್ಯೆ ಆವಯಿಚೊ.
45) ರೊಸ್ಯಾಂಚ್ಯೆ ರಾಂದ್ಣಿ ಲಾಯ್ಲಿಂ ಶಿರ್ಪುಟಾಂ, ವಯ್ರ್ ಪಡ್ಲಿಂ ಹಾಡ್ಕುಟಾಂ ಹೊಕ್ಲೆ ಆವಯಿಚಿಂ.

5.5 ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ವೊಜಿಂ ಯೆತಾನಾಂ ವೊವಿಯೊ

ಆದಿಂ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಖರ್ಚಾಕ್ ಜಾಯ್ ಪಡ್ಚ್ಯೊ ವಸ್ತು ವೊಜ್ಯಾಂ ರುಪಾರ್ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಯೇವ್ನ್ ಪಾವ್ತಾಲ್ಯೊ. ದಾಯ್ಜಿ, ಬಾಪ್ಲೆ, ಮಾವ್ಲೆ, ಘರ್ಚೆ ಜಾಂವಂಯ್ ವೊಜಿಂ ಹಾಡ್ನ್ ಯೆತಾಲಿ. ವೊಜ್ಯಾಂ ರುಪಾರ್ ತಾಂದ್ಳಾಚೆ ಮುಡೆ, ಬೊಂಡೆ, ನಾರ್ಲ್, ಘಡಾಯ್, ಕುವಾಳೆ, ಶಿರೊತ್ಯೊ, ರಾಂದ್ವಯ್, ದುಕೊರ್ ಸ್ಯೆತ್ ಸಂಭ್ರಮಿಕ್ ರಿತಿನ್ ವೊಜ್ಯಾಂನಿ ಪುರ್ಶಾಂವಾ ರುಪಾರ್ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಕ್ ಬೆಂಡಾ ವ್ಹಾಜ್ವಾರ್ ಹಾಡ್ನ್ ಯೆತಾಲೆ. ವೊಜಿಂ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಹಾಡ್ತಾನಾ ಆನಿ ಘರ್ಚೊ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ತಾಂಕಾಂ ಘಾವೊತೊ ಮಾನ್ ದೀವ್ನ್ ತಿಂ ವೊಜಿಂ ಘೆತಾನಾ ಅರ್ಥಾಭರಿತ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ಹ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಾಚೊ ಸಂಭ್ರಮ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾಂ ಮಾಲ್ಘಡಿಂ ಪಾಚಾರ್ತಾಲಿಂ.

46) ಘಾಟಾಚೆ ಬೋಯ್ಲ್ ದೆವ್ರೊಂದಿತ್ ಸಕ್ಲಾ, ಸಾಂಬಾರಾಚ್ಯೊ ಗೋಣಿಯೊ ಆತಾ ಯೇಂವ್ ಘರಾ.
47) ಆಮ್ಚ್ಯಾಕ್ ಮಿಸ್ರಾಂಗ್ ವಾಟುಂಕ್ ಆಸಾ ವಾನ್, ದೊಡ್ತೊ ದೀ ಮಾನ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾ ಜಾಂವ್ಯಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
48) ಹ್ಯಾವಿ ಮಾಟ್ವಾಕ್ ಯೆತಾತ್ ಕಿತೆಂ ವೊಜಿಂ, ಯೆತಾತ್ ಶೆಂಭರ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ತುಜ್ಯಾ ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಗೆಲಿಂ.
49) ಕೇಸ್ ಕಾಡ್ನ್ ಕೆಲ್ಯಾನ್ ಘಾಲೊ ವಾಕೊರ್, ವೊಜ್ಯಾರ್ ಹಾಡ್ಲಾ ದುಕೊರ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾ ಮಿವ್ಹ್ಯಾನ್ ತುಜಾ.
50) ದಾಯ್ಜಿ, ಜಾಂವಂಯ್ ಹಾಡ್ನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾತ್ ಘಡಾಯ್, ನಾರ್ಲ್, ಶಿರೊತ್ಯೊ, ಕೊರೊಲ್ಯಾಂಕ್ ಘೆವ್ನ್ ಮುಕಾರ್ ಯೇ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾ ಆತಾಂ ಘೆಂವ್ಕ್ ತ್ಯೊ.
51) ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಚೊ ಮಾಟೊವ್ ಬಾಂದ್ಲಾ ಸುಂಬಾಂನಿ, ಧುವೆ ಜಾಂವ್ಯಾಂಚಿಂ ವೊಜಿಂ ಆಯ್ಲಿಂ ಬೆಂಡಾ ವಾಜ್ಪಾನಿಂ.
52) ಭಾಂಗಾರ್ ತುಕುನ್ ದಿಲಾಂ ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್ ಕೆಂಪಾ ವಜ್ರಾಚಿಂ ಮುದ್ಯಾಂ, ಕುಸ್‌ಲ್ಲಿಂ ದುದ್ಯಾಂ ಹ್ಯಾಯಿ ವೊಜಾಂ ವಯ್ರ್.
53) ನಾರ್ಲೆಲ್ ತೆಲಾಕ್ ಕಾಪ್ಸಾಚೆ ವಾತ್, ಭಾಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಜಾಲಿ ರಾತ್ ವೊಫ್ಲಿಂ ಝುಮೆತಾತ್.
54) ಟಿಪ್ಪುಕ್ ಆನಿ ಇಂಗ್ಲೆಜಾಂಕ್ ಜಾಲಿ ತಿ ಲಡಾಯ್, ಬಂಗಾಳೆ ಘಡಾಯ್ ಹ್ಯಾವಿ ವೊಜ್ಯಾಂಚೆರ್.

5.6 ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ರಾಂದಾಪ್ ಕರ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ರೊಸಾಚ್ಯಾ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ಕುವಾಳ್ಯಾಚೊ 'ಪ್ರೊಳವ್' ಕರ್ಚೆ ರಿವಾಜ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಚಿ. ಹಿ ರಿವಾಜ್ ಆತಾಂಯೀ ಚಾಲು ಆಸಾ. ಕುವಾಳ್ಯಾಚ್ಯಾ ಪ್ರೊಳವಾಕ್ ಬೊಕ್ರ್ಯಾಮಾಸ್ ವಾ ಗಾಂಲ್ಯೊ ಭಸ್ಸುಂಚೆಂ ಆಸಾ. ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಆನಿ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಸಂಬಂಧಿತ್ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್ ಏಕ್ ವಿಶೇಷ್ ಸ್ಥಾನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಕುವಾಳೊ ಕಾತ್ರುಂಕ್ ಜಾಂವ್, ಆದಾನ್ ದವರುಂಕ್ ಜಾಂವ್, ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್ ಪಯ್ಲೆಂ ಹಕ್ಕ್ ಬಾಂದಾಲೆಂ. ದಾಯ್ಜ್ಯಾ ಸಾಂಗಾತಾ ಕುಟ್ಮಾಚಿಂ ಸೆಜ್-ಸಾಂಬಾರಾಚಿಂ, ವಾಡ್ಯಾಚಿಂ ಸಾಂಗಾತಾ ಮೆಳೊನ್ ಕುವಾಳೊ ಶಿಂದ್ತಾಲಿಂ. ಆಪ್ಲಿಂ ಮಾಲ್ಘಡಿಂ ಘೋವ್ ಉರ್ಜೆನ್, ಘಾವೊತ್ಯಾ ರಿತಿನ್, ಸಂಭ್ರಮಾನ್ ತೆಂ ಕಾಮ್ ಕರ್ತಾಲಿಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಸತ್ ವೊವಿಯಾಂ ದ್ವಾರಿಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಕಳ್ತಾ.

५५) देवा बापा, देवा पुता, देवा स्पिरीत सांता, कुर्पेच्या दिसा दायजी कुवाळो कातर्ता.
५६) होरेतारे बाबा खांदार तुजा श्हेल, कुवाळो कात्रुंक नितळ कर नेल.
५७) भयणिच्या काजाराक भयणीक दुवाळे, काशी कुवाळे भावान हाडयिले.
५८) शेंभोरशें कोबू आसात काटांत, दायजी कुवाळो कातरता मधें माटवांत.
५९) पानपोड थिमटी सुनो आसा ताटांत, दायजी सर्व जम्ल्यात येज्मान्या माटवांत.
६०) बाल्तू मुटी मार्ताना धांवोन येरे कयताना, साट सत्तर आयदाना ह्यायी रोस्यालागीं.
६१) चून कांतलेल्ल्या वोवळ्यांनो करा तुमी मोर्दी, काप्येक दिल्या वर्दी आमच्या येज्मानीन.

५.७ रोस काडताना वोवियो

लग्नाच्या आदल्या दिसा दनपारां वा सांजेर, वाड्यागारां दायजी तशें कुटमाचीं रोस काडुंक सांगाता मेळतालीं. कुटमाच्या येज्मान्या सांगाता दायजी माटवांत रोस काडच्याखातीर नारल फोडतालीं. हो नारल कांतून ताचे थावन अपूट रोस काडतालीं. रोस काडताना आश्यो वोवियो म्हणतात.

६२) रोस काडच्ये येज्मानी काड संता खुर्साची कुरू, सगळ्ये पर्जेक पावोन रोस आधीक ऊर.
६३) गोर्वांक आंबुडन गेलो तो नायतो, नारल फोडुंक येज्मानी हाड कोयतो.
६४) दनपारां जेवणाक निसत्याक मासळे कडी, दायज्यांक घेवून येज्मान नारल फोडी.
६५) आपरोस काडला कोणाक सांगोन, रजा मागोन आमचा जेजुलागीं.
६६) नारलाचो रोस दिसता आपूट धवो, कुटमासंगीं उरों शाश्वीत एकवट तुजो.

५.८ रोसाक बसयताना वोवियो

दनपाराच्या वेळार वा सांज जाताना होरेताक व होकलेक रोसाक बसयतालीं. आमोरी, मागणें म्हणोन रोसाचें पवित्र कार्‍यें सुर्वात कर्तालीं. त्या उपरांत होरेताक वा होकलेक बेसांवाक उबीं कर्तालीं. माटवांत मधें दवरल्ल्या बांकार आल्तारीक पळेवन

55) ದೆವಾ ಬಾಪಾ, ದೆವಾ ಪುತಾ, ದೆವಾ ಸ್ಪಿರಿತ್ ಸಾಂತಾ, ಕುರ್ಪೆಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ದಾಯ್ಜಿ ಕುವಾಳೊ ಕಾತರ್ತಾ.
56) ಹೊರೆತಾರೆ ಬಾಬಾ ಖಾಂದಾರ್ ತುಜಾ ಶೆಲ್, ಕುವಾಳೊ ಕಾತ್ರುಂಕ್ ನಿತಳ್ ಕರ್ ನೆಲ್.
57) ಭಯ್ಣಿಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಭಯ್ಣಿಕ್ ದುವಾಳೆ, ಕಾಶಿ ಕುವಾಳೆ ಭಾವಾನ್ ಹಾಡಯಿಲೆ.
58) ಶಿಂಭೊರ್‌ಶಿಂ ಕೊಬು ಆಸಾತ್ ಕಾಟಾಂತ್, ದಾಯ್ಜಿ ಕುವಾಳೊ ಕಾತರ್ತಾ ಮಧೆಂ ಮಾಟ್ವಾಂತ್.
59) ಪಾನ್‌ಫೊಡ್ ಧಿಮ್ಮಿ ಸುನೊ ಆಸಾ ತಾಟಾಂತ್, ದಾಯ್ಜಿ ಸರ್ವ್ ಜಮ್ಲ್ಯಾತ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್.
60) ಬಾಲ್ತು ಮುಟ ಮಾತರ್ತಾನಾ ಧಾಂವ್ರೊನ್ ಯೇರೆ ಕಯ್ತಾನಾ, ಸಾಟ್ ಸತ್ತರ್ ಆಯ್ದಾನಾ ಹ್ಯಾಯಿ ರೊಸ್ಯಾಲಾಗಿಂ.
61) ಚೂನ್ ಕಾಂತ್ಲೆಲ್ಲ್ಯಾ ವೊಪ್ಯಾಂನೊ ಕರಾ ತುಮಿ ಮೊರ್ದಿ, ಕಾಪ್ಯೆಕ್ ದಿಲ್ಯಾ ವರ್ದಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್.

5.7 ರೋಸ್ ಕಾಡ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ಲಗ್ನಾಚ್ಯಾ ಆದ್ಲ್ಯಾ ದಿಸಾ ದನ್ಪಾರಾಂ ವಾ ಸಾಂಜೆರ್. ವಾಡ್ಯಾಗಾರಾಂ ದಾಯ್ಜಿ ತಶೆಂ ಕುಟ್ಮಾಚಿಂ ರೋಸ್ ಕಾಡುಂಕ್ ಸಾಂಗಾತಾ ಮೆಳ್ತಾಲಿಂ. ಕುಟ್ಮಾಚ್ಯಾ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾ ಸಾಂಗಾತಾ ದಾಯ್ಜಿ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ರೋಸ್ ಕಾಡ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ನಾರ್ಲ್ ಫೊಡ್ತಾಲಿಂ. ಹೊ ನಾರ್ಲ್ ಕಾಂತುನ್ ತಾಚೆ ಥಾವ್ನ್ ಅಪ್ರುಟ್ ರೋಸ್ ಕಾಡ್ತಾಲಿಂ. ರೋಸ್ ಕಾಡ್ತಾನಾ ಅಶ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್.

62) ರೋಸ್ ಕಾಡ್ಲ್ಯೆ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಕಾಡ್ ಸಂತಾ ಖುರ್ಸಾಚಿ ಕುರು, ಸಗ್ಳ್ಯೆ ಪರ್ಜೆಕ್ ಪಾವ್ರೊನ್ ರೋಸ್ ಆಧಿಕ್ ಉರ್‌.
63) ಗೊರ್ವಾಂಕ್ ಆಂಬುಡ್ನ್ ಗೆಲೊ ತೊ ನಾಯ್ತೊ, ನಾರ್ಲ್ ಫೊಡುಂಕ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಹಾಡ್ ಕೊಯ್ತೊ.
64) ದನ್ಪಾರಾಂ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ನಿಸ್ತ್ಯಾಕ್ ಮಾಸ್ಳೆ ಕಡಿ, ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್ ಘೆವುನ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ನಾರ್ಲ್ ಫೊಡಿ.
65) ಆಪ್ರೊಸ್ ಕಾಡ್ಲಾ ಕೊಣಾಕ್ ಸಾಂಗೊನ್, ರಜಾ ಮಾಗೊನ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಜೆಜುಲಾಗಿಂ.
66) ನಾರ್ಲಾಚೊ ರೋಸ್ ದಿಸ್ತಾ ಆಪುಟ್ ಧವೊ. ಕುಟ್ಮಾಸಂಗಿಂ ಉರೊಂ ಶಾಶ್ವಿತ್ ಎಕ್ವಟ್ ತುಜೊ.

5.8 ರೊಸಾಕ್ ಬಸಯ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ದನ್ಪಾರಾಚ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ವಾ ಸಾಂಜ್ ಜಾತಾನಾ ಘೊರೆತಾಕ್ ವ ಧೊಕ್ಲಿರ್ ರೊಸಾಕ್ ಬಸಯ್ತಾಲಿಂ. ಆಮೊರಿ. ಮಾಗ್ಣೆಂ ಮ್ಹಣೊನ್ ರೊಸಾಚೆಂ ಪವಿತ್ರ್ ಕಾರ್ಯೆಂ ಸುವಾತ್ ಕರ್ತಾಲಿಂ. ತ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಘೊರೆತಾಕ್ ವಾ ಧೊಕ್ಲಿರ್ ಬೆಸಾಂವಾಕ್ ಉಬಿಂ ಕರ್ತಾಲಿಂ.

होरेत व होकाल आपल्या धेड्यां वा धेडियां बराबर रोसाक बसता. त्या उपरांत संभ्रमीक रितीन पयलें एका कोपांत अपूट नारलाचें तेल आनी कुलेर घेवन होरेत वा होकलेची आवय आनी तिचे बराबर सांपरदायीक रितीन तीन, पांच व सात बोशियांनीं अपूट नारला रोस घेवन होरेत व होकलेच्यो भयणी, वोनियो, मावश्यो, आकयो, दायजी स्त्रीयो माटवाक येतात. आवय मधें रावता आनी रोसाच्यो बोशियो हाडन आयिल्लीं हेरां तिच्या उज्व्याक आनी बगलेक होरेताक वा होकलेक फूड कर्न रावतात. तेलाचें कोप आनी रोसाच्यो बोशियो बांकार दवर्तात. हेर सक्कड स्त्रीयो तांच्या पाटल्यान म्हणजे होरेताच्या वा होकलेच्या मुखल्यान तांकां वेडो घालन म्हळ्ळेबरी उबीं जातात. ह्या वेळार वोवियांची सांकळ आशी सुरू जाता.

६७) रोसच काडून दवरिला नेला, पयलो मान दिला सर्गिंच्या देवा बापाक.
६८) रोसाचा माटवांत सयरीं सबार जम्लीं, आंकवार माय पावली होकलेक बेसांव दीवंक.
६९) रोस लांवचे येज्मानी मनी कर तेसांव, दीगे माये बेसांव सायबिणी.
७०) रोस काडला बांयिच्या उदकान, आंकवार मायेच्या पुत्रान रोसाक बेसांव दिलां.
७१) रोस काडला देडा खांडियेचो, उबो रावोन पळेता पूत्र मरियेचो.
७२) हाड्या निसण आनी देंवया मुडे, लोरेट माय येता फुडें रोसाक बेसांव दीवंक.
७३) वाटलेंत हाडला रोस नारला वोळ्याचो, हुसको मोगाचो होकले आवयिचो.
७४) रोसाच्या माटवांत शिरोतिगी पान, पयलो दियात मान वाड्याच्या गुर्काराक.
७५) हो रोस हाडन दवरला कदेला, सूऱ्यो उदेला होकले रोसालागीं.
७६) कोसेस माय उबी मेजार, फाल्यां काजार तुज्या फिल्यादाक.
७७) कोसेस माये कदेल दवर्न बस, आज दवरला रोस तुज्या फिल्यादाक.
७८) कोसेस माये कितें तुका येवें, कदेल दिलां नवें माये सियासण.
७९) रोसाचो धवो निर्मळायेचो गूर्त, दींव व्हरेता आर्थ तुजे जिणियेक.

५.९ कानीं–ताळवेक तेल घाल्ताना वोवियो

पयल्यान पयलें सांतिस्सिमा त्रिंदादीक नमान करून, मऱ्ये मायेची, सांता भक्तांची ससाय मागोन रोसाच्या काऱ्याची सुर्वात कर्तालीं. रोस लांवचे पयलें कानांक तशें ताळवेक नारलेल तेल घाल्तालीं. कपालार तेलाचो खुरीस काडतालीं. तेल पुसचो संकेत जावन्‌ासा घटायेचो. काजार जांवचीं होकल नवरो परिपिकायेक पावल्लीं तर्नाटीं. तांच्या निर्धारांत तशेंच तांच्या लग्ना भेसांत स्थीर आनी धृड रांवच्याखातीर हांगासर तेलाचो उपयोग कर्तात. कानीं ताळवेक तेल घाल्च्या विश्यांत वोवियो आश्यो आसात.

८०) कानो घालें तेल कपोलीं काडलो खुरीस वयकुंटिंचो, जेजुक्रीसत व्हरेताक बेसांव दीत.
८१) कानीं ताळवे तेल घालन बसया बांका, पयलो मान तुका सर्गिंच्या देवाबापा.
८२) कानीं ताळवे तेल घालून सगळेंयी आंगार देंवलें, आपुरबायेचें बावलें आमचीं व्हकाल बाय.
८३) आकाशीं माड नारल खुब्यार, तेलाचो खुरीस व्हरेताच्या कपालार.

ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಮಧೆಂ ದವರ್ಲ್ಲ್ಯಾ ಬಾಂಕಾರ್ ಆಲ್ತಾರಿಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಹೊರೆತ್ ವ ಹೊಕಾಲ್ ತಿಪ್ಲ್ಯಾ ಧೆಡ್ಯಾಂ ವಾ ಧೆಡಿಯಾಂ ಬರಾಬರ್ ರೊಸಾಕ್ ಬಸ್ತಾ. ತ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಸಂಭ್ರಮಿಕ್ ರಿತಿನ್ ಪಯ್ಲೆಂ ಏಕಾ ಕೊಪಾಂತ್ ಅಪುಟ್ ನಾರ್ಲ್ಯಾಚೆಂ ತೇಲ್ ಆನಿ ಕುಲೆರ್ ಘೆವ್ನ್ ಹೊರೆತ್ ವಾ ಹೊಕ್ಲೆಚಿ ಆವಯ್ ಆನಿ ತಿಚೆ ಬರಾಬರ್ ಸಾಂಪ್ರದಾಯಿಕ್ ರಿತಿನ್ ತೀನ್, ಪಾಂಚ್ ವ ಸಾತ್ ಬೊತಿಯಾಂನಿಂ ಅಪುಟ್ ನಾರ್ಲ್ಯಾ ರೋಸ್ ಘೆವ್ನ್ ಹೊರೆತ್ ವ ಹೊಕ್ಲೆಚ್ಯೊ ಭಯ್ಣಿ, ವೋಸಿಯೊ, ಮಾವ್ಶ್ಯೊ, ಆಕಯೊ, ದಾಯ್ಜಿ ಸ್ತ್ರೀಯೊ ಮಾಟ್ವಾಕ್ ಯೆತಾತ್. ಆವಯ್ ಮಧೆಂ ರಾವ್ತಾ ಆನಿ ರೊಸಾಚ್ಯೊ ಬೊತಿಯೊ ಹಾಡ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲಿಂ ಹೆರಾಂ ತಿಚ್ಯಾ ಉಜ್ವ್ಯಾರ್ ಆನಿ ಬಗ್ಲೆರ್ ಹೊರೆತಾಕ್ ವಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಫುಡ್ ಕರ್ನ್ ರಾವ್ತಾತ್. ತೆಲಾಚೆಂ ಕೊಪ್ ಆನಿ ರೊಸಾಚ್ಯೊ ಬೊತಿಯೊ ಬಾಂಕಾರ್ ದವರ್ತಾತ್. ಹೆರ್ ಸರ್ಕಡ್ ಸ್ತ್ರೀಯೊ ತಾಂಚ್ಯಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಮ್ಹುಣ್ಜೆ ಹೊರೆತಾಚ್ಯಾ ವಾ ಹೊಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಮುಖ್ಲ್ಯಾನ್ ತಾಂಕಾಂ ವೆಡೊ ಘಾಲ್ನ್ ಮ್ಹುಳ್ಳೆಬರಿ ಉಬಿಂ ಜಾತಾತ್. ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ವೊಪಿಯಾಂಚಿ ಸಾಂಕಳ್ ಆಶಿ ಸುರು ಜಾತಾ.

67) ರೊಸ್‌ಚ್ ಕಾಡುನ್ ದವ್ರಿಲಾ ನೆಲಾ, ಪಯ್ಲೊ ಮಾನ್ ದಿಲಾ ಸರ್ಗಿಂಚ್ಯಾ ದೆವಾ ಬಾಪಾಕ್.
68) ರೊಸಾಚಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಸಯ್ರಿಂ ಸಬಾರ್ ಜಮ್ಲಿಂ, ಆಂಕ್ವಾರ್ ಮಾಯ್ ಪಾವ್ಲಿ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಬೆಸಾಂವ್ ದೀಂವ್ಕ್.
69) ರೋಸ್ ಲಾಂವ್ಚೆ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಮನಿ ಕರ್ ತೆಸಾಂವ್, ದೀಗೆ ಮಾಯೆ ಬೆಸಾಂವ್ ಸಾಯ್ಬಿಣಿ.
70) ರೋಸ್ ಕಾಡ್ಲಾ ಬಾಂಯಿಚ್ಯಾ ಉದ್ಕಾನ್, ಆಂಕ್ವಾರ್ ಮಾಯೆಚ್ಯಾ ಪುತ್ರಾನ್ ರೊಸಾಕ್ ಬೆಸಾಂವ್ ದಿಲಾಂ.
71) ರೋಸ್ ಕಾಡ್ಲಾ ದೆಡಾ ಖಾಂಡಿಯೆಚೊ, ಉಬೊ ರಾವೊನ್ ಪಳೆತಾ ಪೂತ್ರ್ ಮರಿಯೆಚೊ.
72) ಹಾಡ್ಯಾ ನಿಸಣ್ ಆನಿ ದೆಂವಯಾ ಮುಡ, ಲೊರೆಟ್ ಮಾಯ್ ಯೆತಾ ಫುಡೆಂ ರೊಸಾಕ್ ಬೆಸಾಂವ್ ದೀಂವ್ಕ್.
73) ವಾಟ್ಲೆಂತ್ ಹಾಡ್ಲಾ ರೋಸ್ ನಾರ್ಲ್ಯಾ ವೊಳ್ಯಾಚೊ, ಹುಸ್ಕೊ ಮೊಗಾಚೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಆವಯಿಚೊ.
74) ರೊಸಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಶಿರೊತಿಗಿ ಪಾನ್, ಪಯ್ಲೊ ದಿಯಾತ್ ಮಾನ್ ವಾಡ್ಯಾಚ್ಯಾ ಗುರ್ಕಾರಾಕ್.
75) ಹೊ ರೋಸ್ ಹಾಡ್ನ್ ದವರ್ಲ್ಯಾ ಕದೆಲಾ, ಸುರ್ಯೊ ಉದೆಲಾ ಹೊಕ್ಲೆ ರೊಸಾಲಾಗಿಂ.
76) ಕೊಸೆಸ್ ಮಾಯ್ ಉಬಿ ಮೆಜಾರ್, ಘಾಲ್ಯಾಂ ಕಾಜಾರ್ ತುಜ್ಯಾ ಫಿಲ್ಯಾದಾಕ್.
77) ಕೊಸೆಸ್ ಮಾಯೆ ಕದೆಲ್ ದವರ್ನ್ ಬಸ್, ಆಜ್ ದವರ್ಲ್ಯಾ ರೊಸ್ ತುಜ್ಯಾ ಫಿಲ್ಯಾದಾಕ್.
78) ಕೊಸೆಸ್ ಮಾಯೆ ಕಿತೆಂ ತುಕಾ ಯೆವೆಂ, ಕದೆಲ್ ದಿಲಾಂ ನವೆಂ ಮಾಯೆ ಸಿಯಾಸಣ್.
79) ರೊಸಾಚೊ ಧವ್ರೊ ನಿರ್ಮಳಾಯೆಚೊ ಗುರ್ತ್, ದೀಂವ್ ವ್ಹರೆತಾ ಆರ್ಥ್ ತುಜೆ ಜಿಣಿಯೆಕ್.

5.9 ಕಾನಿಂ–ತಾಳ್ವೆಕ್ ತೇಲ್ ಘಾಲ್ತಾನಾ ವೊಪಿಯೊ

ಪಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಪಯ್ಲೆಂ ಸಾಂತಿಸ್ಸಿಮಾ ತ್ರಿಂದಾದಿಕ್ ನಮಾನ್ ಕರುನ್, ಮರ್ಯೆ ಮಾಯೆಚಿ, ಸಾಂತಾ ಭಕ್ತಾಂಚಿ ಸಸಾಯ್ ಮಾಗೊನ್ ರೊಸಾಚ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಾಚಿ ಸುರ್ವಾತ್ ಕರ್ತಾಲಿಂ. ರೋಸ್ ಲಾಂವ್ಚೆ ಪಯ್ಲೆಂ ಕಾನಾಂಕ್ ತಶೆಂ ತಾಳ್ವೆಕ್ ನಾರ್ಲ್ಯಾಲ್ ತೇಲ್ ಘಾಲ್ತಾಲಿಂ. ಕಪಾಲಾರ್ ತೆಲಾಚೊ ಖುರಿಸ್ ಕಾಡ್ತಾಲಿಂ. ತೆಲ್ ಪ್ರಸ್ಕೊ ಸಂಕೇತ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ ಘಟಾಯೆಚೊ. ಕಾಜಾರ್ ಜಾಂವ್ಚೆಂ ಹೊಕಲ್ ನವ್ರೊ ಪರಿಪಿಕಾಯೆಕ್ ಪಾವ್ಲ್ಲಿಂ ತರ್ನಾಟೆಂ. ತಾಂಚ್ಯಾ ನಿರ್ಧಾರಾಂತ್ ತಶೆಂಚ್ ತಾಂಚಾ ಲಗ್ನಾ ಭೆಸಾಂತ್ ಸ್ಥಿರ್ ಆನಿ ಧ್ರಡ್ ರಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಹಾಂಗಾಸರ್ ತೆಲಾಚೊ ಉಪಯೋಗ್ ಕರ್ತಾತ್. ಕಾನಿಂ ತಾಳ್ವೆಕ್ ತೇಲ್ ಘಾಲ್ಚ್ಯಾ ಪರ್ಯಾಂತ್ ವೊಪಿಯೊ ಆಶ್ಯೊ ಆಸಾತ್.

80) ಕಾನಿ ಘಾಲೆಂ ತೆಲ್ ಕಪ್ರೊಲಿಂ ಕಾಡ್ಲೊ ಖುರಿಸ್ ವಯ್ಲ್ಯಾಂಟಿಂಚೊ, ಜೆಜುಕ್ರೀಸ್ತ್ ವ್ಹರೆತಾಕ್ ಬೆಸಾಂವ್ ದೀತ್.
81) ಕಾನಿಂ ತಾಳ್ವೆ ತೆಲ್ ಘಾಲ್ನ್ ಬಸಯಾ ಬಾಂಕಾ, ಪಯ್ಲೊ ಮಾನ್ ತುಕಾ ಸರ್ಗಿಂಚ್ಯಾ ದೆವಾಬಾಪಾ.
82) ಕಾನಿಂ ತಾಳ್ವೆ ತೆಲ್ ಘಾಲುನ್ ಸಗ್ನೆಂಯಿ ಅಂಗಾರ್ ದೆಂವ್ಲೆಂ, ಅಮರ್ಭಾಯೆಚೆಂ ಬಾವ್ಲೆಂ ಆಮ್ಚಿಂ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
83) ಅಕಾಶಿಂ ಮಾಡ್ ನಾರ್ಲ್ ಖುಬ್ಯಾರ್, ತೆಲಾಚೊ ಖುರಿಸ್ ವ್ಹರೆತಾಚ್ಯಾ ಕಪಾಲಾರ್.

८४) आकाशीं मोड धर्णीक जाल्या शेळ, सिलवांगेल्या चल्याक चलियेक कानीं घाला तेल.
८५) नारलेला वर्नी तिळेल मेल, होकलेगे बाये तुज्या कानीं तेल.
८६) आंब्याच्या दोसी, साक्रिचें मेल, पांच थेंबे तेल व्हकलेच्या कानीं घाल.
८७) कानी ताळवे तेल घालन ताळू फांकया, सोभाग्यांक आपया ह्यायी रोसालागीं.
८८) नारलाचें तेल व्हरेता घटायेक बरें, मुकलें जिणें जांव तुजें रगळ्यांविणे.
८९) शेण कोयर काडन नितळ जालें नेल, वोवळ्यांक घालें तेल आमचे येज्मानीन.
९०) तेलाचो खुरीस होकले कपलार सोभता, कुळाराचो उडास केदिंच विस्रोनाका.

५.१० रोस पुसताना वोवियो

अपूट नारलाचो रोस जावनासा नितळायेचो संकेत. रोस पुसचो संदर्भ जावनासा होरेताक वा होकलेक दैहीक रितीन नितळ कर्न लग्नाचो पवित्र साक्रामेंत घेवंक तयार कर्चें. त्या देकून होकलेक या होरेताक नारलाचो रोस तोंडाक आनी आंगाक पुसून न्हाणंवचो संपरदाय रोसाच्या कार्‍यांत प्रमूख पात्र घेता. ह्या वेळार म्हणच्यो वोवियो आश्यो आसात.

९१) आपरोसाची वाटली कसगारान पेटली, आंकवार माय भेटली ह्यावी रोसालागीं.
९२) आपरोस काडला, कोणाक सांगोन, रजा मागोन, आमच्या जेजुलागीं.
९३) आपरोस काडला, देडा वोळ्याचो, उबो रावोन पळेयता, पुत्र मरियेचो.
९४) आपरोस काडन, दवरला बोशिये, जेजुच्ये खुशिये, येज्मानीन रोस काडला.
९५) आपरोस रोस वयल्यान गळात, सर्गीं थावन पळेयत व्हकले बापय तुजो.
९६) आपरोसाच्ये बोशिये, मुयांच्यो हारी, आयावो नारी, चोवगी रोस लाय.
९७) आपरोस हाडन दवरला वाटलेंत, नोवरो रोसाक बसला मधें माटवांत.
९८) आपरोस येज्मानिच्या सावला, सोजांगेल्या बावल्या आज रोस लाया.
९९) आपरोस येज्मानिच्या कांकणा, दाक जाल्या पाटणा, हांगा रोस म्हण.

84) ಆಕಾಶಿಂ ಮೊಡ್ ಧರ್ಣಿಕ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಶೆಳ್, ಸಿಲ್ವಾಂಗೆಲ್ಯಾ ಚಲ್ಯಾಕ್ ಚಲಿಯೆಕ್ ಕಾನಿಂ ಘಾಲಾ ತೆಲ್.
85) ನಾರ್ಲೆಲಾ ವರ್ನಿ ತಿಳೆಲ್ ಮೇಲ್, ಹೊಕ್ಲೆಗೆ ಬಾಯೆ ತುಜ್ಯಾ ಕಾನಿಂ ತೇಲ್.
86) ಆಂಬ್ಯಾಚ್ಯಾ ದೊಸಿ, ಸಾಕ್ರಚೆಂ ಮೆಲ್, ಪಾಂಚ್ ಥೆಂಬೆ ತೆಲ್ ವ್ಹಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಕಾನಿಂ ಘಾಲ್.
87) ಕಾನಿ ತಾಳ್ವೆ ತೆಲ್ ಘಾಲ್ನ್ ತಾಳು ಘಾಂಕಯಾ, ಸೊಭಾಗ್ಯಾಂಕ್ ಆಪಯಾ ಹ್ಯಾಯಿ ರೊಸಾಲಾಗಿಂ.
88) ನಾರ್ಲಾಚೆಂ ತೇಲ್ ವ್ಹರೆತಾ ಘಟಾಯೆಕ್ ಬರೆಂ, ಮುಕ್ಲೆಂ ಜಿಣೆಂ ಜಾಂವ್ ತುಜೆಂ ರಗ್ಯಾಂವಿಣೆ.
89) ಶೆಣ್ ಕೊಯ್ರ್ ಕಾಡ್ನ್ ನಿತಳ್ ಜಾಲೆಂ ನೆಲ್, ವೊವ್ಯಾಂಕ್ ಘಾಲೆಂ ತೆಲ್ ಆಮ್ಚೆ ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್.
90) ತೆಲಾಚೊ ಖುರಿಸ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಕಪಲಾರ್ ಸೊಭ್ತಾ, ಕುಳಾರಾಚೊ ಉಡಾಸ್ ಕೆದಿಂಚ್ ವಿಸ್ರೊನಾಕಾ.

5.10 ರೋಸ್ ಪುಸ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ಅಪುರ್ಟ್ ನಾರ್ಲಾಚೊ ರೋಸ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ ನಿತಳಾಯೆಚೊ ಸಂಕೇತ್. ರೋಸ್ ಪ್ರಸ್ಟ್ರೊ ಸಂದರ್ಭಿ ಜಾವ್ನಾಸಾ ಹೊರೆತಾಕ್ ವಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ದೈಹಿಕ್ ರಿತಿನ್ ನಿತಳ್ ಕರ್ನ್ ಲಗ್ನಾಚೊ ಪವಿತ್ರ್ ಸಾಕ್ರಾಮೆಂತ್ ಘೆಂವ್ಕ್ ತಯಾರ್ ಕರ್ಚೆಂ. ತ್ಯಾ ದೆಕುನ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಯಾ ಹೊರೆತಾಕ್ ನಾರ್ಲಾಚೊ ರೋಸ್ ತೊಂಡಾಕ್ ಆನಿ ಆಂಗಾಕ್ ಪುಸುನ್ ನ್ಹಾಣಂವ್ಚೊ ಸಂಪ್ರದಾಯ್ ರೊಸಾಚ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಾಂತ್ ಪ್ರಮುಖ್ ಪಾತ್ರ್ ಘೆತಾ. ತ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಮ್ಹುಣ್ಚ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಅಶ್ಯೊ ಆಸಾತ್.

91) ಆಪ್ರೊಸಾಚಿ ವಾಟ್ಲಿ ಕಸ್ಗರಾನ್ ಪೆಟ್ಲಿ, ಆಂಕ್ವಾರ್ ಮಾಯ್ ಭೆಟ್ಲಿ ಹ್ಯಾವಿ ರೊಸಾಲಾಗಿಂ.
92) ಆಪ್ರೊಸ್ ಕಾಡ್ಲಾ, ಕೊಣಾಕ್ ಸಾಂಗೊನ್, ರಜಾ ಮಾಗೊನ್, ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಜೆಜುಲಾಗಿಂ.
93) ಆಪ್ರೊಸ್ ಕಾಡ್ಲಾ, ದೆಡಾ ವ್ರೊಳ್ಯಾಚೊ, ಉಪೊ ರಾವ್ರೊನ್ ಪಳೆಯ್ತಾ, ಪುತ್ರ್ ಮರಿಯೆಚೊ.
94) ಆಪ್ರೊಸ್ ಕಾಡ್ನ್, ದವರ್ಲಾ ಬೊಶಿಯೆ, ಜೆಜುಚ್ಯೆ ಖುಶಿಯೆ, ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್ ರೋಸ್ ಕಾಡ್ಲಾ.
95) ಆಪ್ರೊಸ್ ರೋಸ್ ವಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಗಳಾತ್, ಸರ್ಗಿಂ ಥಾವ್ನ್ ಪಳೆಯ್ತ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಬಾಪಯ್ ತುಜೊ.
96) ಆಪ್ರೊಸಾಚ್ಯೆ ಬೊಶಿಯೆ, ಮುಯಾಂಚ್ಯೊ ಹಾರಿ, ಆಯಾವ್ರೊ ನಾರಿ, ಚೊವ್ಗಿ ರೊಸ್ ಲಾಯ್.
97) ಆಪ್ರೊಸ್ ಹಾಡ್ನ್ ದವರ್ಲಾ ವಾಟ್ಲೆಂತ್, ನೊವ್ರೊ ರೊಸಾಕ್ ಬಸ್ಲಾ ಮಧೆಂ ಮಾಟ್ವಾಂತ್.
98) ಆಪ್ರೊಸ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಸಾವ್ಲಾ, ಸೊಜಾಂಗೆಲ್ಯಾ ಬಾವ್ಲ್ಯಾ ಆಜ್ ರೊಸ್ ಲಾಯಾ.
99) ಆಪ್ರೊಸ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಕಾಂಕ್ಣಾ, ದಾಕ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಪಾಟ್ಣಾ, ಹಾಂಗಾ ರೋಸ್ ವ್ಹಡ್.

१००) बारा पुर्सां बांयक तेरा पुर्सां राजू, खुर्सा सयत जेजू, रोसाक बेसांव दीत.
१०१) सोमिणी माये येगे तूं वेगीं, काजार आयलें लागीं तुज्या फिल्यादाक.
१०२) बेसांव मागोन, होकाल बसल्या बांका, दीषट लावन सर्गा जेजू मरियेचेर.
१०३) भांगाराची मुदी सोनारान वारयली, सयरीक बरयली सर्गिंच्या देवाबापान.
१०४) सांत खुरीस आल्तारार वयर, ताणें दिलां धयर आमच्या येज्मान्याक.
१०५) पयली सांताकूर, दुस्रें केलां तेसांव, जेजुचें बेसांव, आमच्ये होकलेक.
१०६) दिंबी आमी घालुयां, खुर्साची कुरू काडुयां, कुर्पा आमी मागुयां, आमचा जेजुलागीं.
१०७) बापायन वागयलें तुका कानिंगी केसीं, आवयन वागयलें तुका उंडियां घासीं.
१०८) बोकऱ्याच्या मासाक रोसाचे पोळे, बापायन केल्लो उपकार सदां चिंतून पळे.
१०९) भारीक रेंव कागदार वोरयली, वाट झरयली व्हकले बापायन तुज्या.
११०) सकाळीं उटताना होकले कुळाराचीं चिंत्नां, आवय बापायचो मोग उरों काळजांत सदां.
१११) सकाळीं उटोन व्हकले आंब्यांक वींच, भिर्मत चींत तुज्या अवयिची.
११२) सकाळीं उटोन घोड्याक केलें मालीस, आवय बापायचें काळीज आमची होकालबाय.
११३) सकाळीं काडल्लीं फुलां, सांजेर बावोलीं, आल्मां पावोलीं ह्यावी रोसालागीं.
११४) सर्गार आसल्ल्या बापय कसली तुका तान, धुवेन दिलां दान तुका ओपीस मीस.
११५) सर्गिंच्या बांयक भांगाराचें धांपणें, वेगीं आयलें आपोणें होकले बापायक तुज्या.
११६) सर्गिंच्या बांयक आड घाला रूक, एक गळय दूक होकले आवयक तुज्या.
११७) पायांक घालिना व्हाण, पोटाक खेलें ना खाण, आसें केलें धन व्हकले बापायन तुज्या.
११८) पयशान जोडल्ले, रुपियान पुंजायले, धुवेच्या काजाराक, बापायक खर्चोन गेले.
११९) पावसच्च येवून उदाक जालें व्हाळा, कषटांत पडलो बाळा बापय तुजो.
१२०) बकऱ्याच्या मासाक रोसाचे पोळे, बापायन केल्लो उपकार फाल्यां चिंतून पळे.
१२१) बकऱ्याच्या मासाचें विंचून काड हाड, भाव येना जाल्यार फोटो काडन धाड.
१२२) वांकडी तिंकडी वाल मुसकार चरयली, वाट झरयली होकले बापायन तुज्या.
१२३) येज्मान्याच्या घरा मुकार आसा पागर, व्हड आसा आधार होकले बापायिचो.
१२४) व्हकलेगे बाये गळ्यांत तुज्या बेंतीण, आवय भरल्या खंतीन धुवेक काजार म्हण.
१२५) लिंबो कात्रून लिंब्याच्यो केल्यो लिंबी, आवय बापायच्या बेसांवाक व्हकले घाल दिंबी.
१२६) शिरोती दवरून शिरोतेर वाडलें शीत, येज्मान्याचें चीत सां जुजे वयर.
१२७) वर्सां जालीं म्हणोन बापायन काडलें काजार, पाटीं ना आधार व्हकले व्हरेता आवयक तुज्या.
१२८) येज्मानिच्या घरा रूक बेवाचो, आधार देवाचो व्हकले आवयक तुज्या.
१२९) आवय मनांत गुणेसत बाळ आमची आसत, पूण शिकैल्या तुका शिसत होकले बापायीन तुज्या.
१३०) आमच्या व्हाळांतल्यान व्हाळोन गेली मासळी, आयच्यान सोड पासळी होकले आवय बापायची.
१३१) आमच्या घरा मुखार केंळब्यान घाला मोको, धुवेक काजार म्हणोन आवयक जाला दखो.
१३२) आमचो येज्मानी, न्हेसला चक्राचें पुडवें, सुरेसोऱ्याचें कर्वें होकले बापूय तुजो.

100) ಬಾರಾ ಪುರ್ಸಾಂ ಬಾಂಯ್ಕ್ ತೆರಾ ಪುರ್ಸಾಂ ರಾಜು, ಖುರ್ಸಾ ಸಯ್ತ್ ಜೆಜು, ರೊಸಾಕ್ ಬೆಸಾಂವ್ ದೀತ್.
101) ಸೊಮಿಣಿ ಮಾಯೆ ಯೆಗೆ ತುಂ ವೆಗಿಂ, ಕಾಜಾರ್ ಆಯ್ಲೆಂ ಲಾಗಿಂ ತುಜ್ಯಾ ಫಿಲ್ಯಾದಾಕ್.
102) ಬೆಸಾಂವ್ ಮಾಗೊನ್, ಹೊಕಾಲ್ ಬಸ್ಲ್ಯಾ ಬಾಂಕಾ, ದೀಷ್ಟ್ ಲಾವ್ನ್ ಸರ್ಗಾ ಜೆಜು ಮರಿಯೆಚೆರ್.
103) ಭಾಂಗಾರಾಚಿ ಮುದಿ ಸೊನಾರಾನ್ ವಾರಯ್ಲಿ, ಸಯ್ರಿಕ್ ಬರಯ್ಲಿ ಸರ್ಗಿಂಚ್ಯಾ ದೆವಾಬಾಪಾನ್.
104) ಸಾಂತ್ ಖುರಿಸ್ ಆಲ್ತಾರಾರ್ ವಯ್ರ್, ತಾಣೆಂ ದಿಲಾಂ ಧಯ್ರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಕ್.
105) ಪಯ್ಲಿ ಸಾಂತಾಕುರ್, ದುಸ್ರೆಂ ಕೆಲಾಂ ತೆಸಾಂವ್, ಜೆಜುಚೆಂ ಬೆಸಾಂವ್, ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರ್ಕ್ಲೆಕ್.
106) ದಿಂಬಿ ಆಮಿ ಘಾಲುಯಾಂ, ಖುರ್ಸಾಚಿ ಕುರು ಕಾಡುಯಾಂ, ಕುರ್ಪಾ ಆಮಿ ಮಾಗುಯಾಂ, ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಜೆಜುಲಾಗಿಂ.
107) ಬಾಪಾಯ್ನ್ ವಾಗಯ್ಲೆಂ ತುಕಾ ಕಾನಿಂಗೀ ಕೆಸಿಂ, ಆವಯ್ನ್ ವಾಗಯ್ಲೆಂ ತುಕಾ ಉಂಡಿಯಾಂ ಘಾಸಿಂ.
108) ಬೊಕ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮಾಸಾಕ್ ರೊಸಾಚೆ ಪೊಳೆ, ಬಾಪಾಯ್ನ್ ಕೆಲ್ಲೊ ಉಪ್ಕಾರ್ ಸದಾಂ ಚಿಂತುನ್ ಪಳೆ.
109) ಭಾರಿಕ್ ರೇಂವ್ ಕಾಗ್ದಾರ್ ವ್ರೊರಯ್ಲಿ, ವಾಟ್ ಝುರಯ್ಲಿ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ.
110) ಸಕಾಳಿಂ ಉಟ್ತಾನಾ ಹೊರ್ಕ್ಲೆ ಕುಳಾರಾಚೆಂ ಚಿಂತ್ನಾಂ, ಆವಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಚೊ ಮೋಗ್ ಉರೊಂ ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಸದಾಂ.
111) ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಆಂಬ್ಯಾಂಕ್ ವೀಂಚ್, ಭಿರ್ಮತ್ ಚೇಂತ್ ತುಜ್ಯಾ ಅವಯಿಚಿ.
112) ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ಘೊಡ್ಯಾಕ್ ಕೆಲೆಂ ಮಾಲಿಸ್, ಆವಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಚೆಂ ಕಾಳಿಜ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್‌ಬಾಯ್.
113) ಸಕಾಳಿಂ ಕಾಡ್‌ಲ್ಲಿಂ ಫುಲಾಂ, ಸಾಂಜೆರ್ ಬಾವ್ರೊಲಿಂ, ಆಲ್ತಾಂ ಪಾವ್ರೊಲಿಂ ಹ್ಯಾವಿ ರೊಸಾಲಾಗಿಂ.
114) ಸರ್ಗಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಬಾಪಯ್ ಕಸ್ಲಿ ತುಕಾ ತಾನ್, ಧುವೆನ್ ದಿಲಾಂ ದಾನ್ ತುಕಾ ಒಪಿಸ್ ಮೀಸ್.
115) ಸರ್ಗಿಂಚ್ಯಾ ಬಾಂಯ್ಕ್ ಭಾಂಗಾರಾಚೆಂ ಧಾಂಪ್ಣಂ, ವೆಗಿಂ ಆಯ್ಲೆಂ ಆಪ್ರೊಣೆಂ ಹೊರ್ಕ್ಲೆ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
116) ಸರ್ಗಿಂಚ್ಯಾ ಬಾಂಯ್ಕ್ ಆಡ್ ಘಾಲಾ ರೂಕ್, ಏಕ್ ಗಳಯ್ ದೂಕ್ ಹೊರ್ಕ್ಲೆ ಆವಯ್ಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
117) ಪಾಯಾಂಕ್ ಘಾಲಿನಾ ವ್ಹಾಣ್, ಪೊಟಾಕ್ ಖೆಲೆಂ ನಾ ಖಾಣ್, ಆಸೆಂ ಕೆಲೆಂ ಧನ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ
118) ಪಯ್ಶ್ಯಾನ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲೆ, ರುಪಿಯಾನ್ ಪುಂಜಾಯ್ಲೆ, ಧುವೆಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್, ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ಖರ್ಚೊನ್ ಗೆಲೆ.
119) ಪಾವ್ಸ್‌ಚ್ಯೆ ಯೆವುನ್ ಉದಾಕ್ ಜಾಲೆಂ ವ್ಹಾಳಾ, ಕಷ್ಟಾಂತ್ ಪಡ್ಲೊ ಬಾಳಾ ಬಾಪಯ್ ತುಜೊ.
120) ಬಕ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮಾಸಾಕ್ ರೊಸಾಚೆ ಪ್ರೊಳೆ, ಬಾಪಾಯ್ನ್ ಕೆಲ್ಲೊ ಉಪ್ಕಾರ್ ಘಾಲ್ಯಾಂ ಚಿಂತುನ್ ಪಳೆ.
121) ಬಕ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮಾಸಾಚೆಂ ವಿಂಚುನ್ ಕಾಡ್ ಹಾಡ್, ಭಾವ್ ಯೇನಾ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಪ್ರೊಟೊ ಕಾಡ್ನ್ ಧಾಡ್.
122) ವಾಂಕ್ಡಿ ತಿಂಕ್ಡಿ ವಾಲ್ ಮುಸ್ಕಾರ್ ಚರಯ್ಲಿ, ವಾಟ್ ಝುರಯ್ಲಿ ಹೊರ್ಕ್ಲೆ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ.
123) ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಕಾರ್ ಆಸಾ ಪಾಗರ್, ವ್ಹಡ್ ಆಸಾ ಆಧಾರ್ ಹೊರ್ಕ್ಲೆ ಬಾಪಾಯಿಚೊ.
124) ವ್ಹಕ್ಲೆಗೆ ಬಾಯೆ ಗಳ್ಯಾಂತ್ ತುಜ್ಯಾ ಬೆಂತಿಣ್, ಆವಯ್ ಭರ್ಲ್ಯಾ ಖಂತಿನ್ ಧುವೆಕ್ ಕಾಜಾರ್ ಮ್ಹಣ್.
125) ಲಿಂಬೊ ಕಾತ್ರುನ್ ಲಿಂಬ್ಯಾಚ್ಯೊ ಕೆಲ್ಯೊ ಲಿಂಬಿ, ಆವಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಚ್ಯಾ ಬೆಸಾಂವಾಕ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಘಾಲ್ ದಿಂಬಿ.
126) ಶಿರೊತಿ ದವರುನ್ ಶಿರೊತೆರ್ ವಾಡ್ಲೆಂ ಶಿತ್, ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಚೆಂ ಚಿತ್ ಸಾಂ ಜುಜೆ ವಯ್ರ್.
127) ವರ್ಸಾಂ ಜಾಲಿಂ ಮ್ಹಣೊನ್ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ಕಾಡ್ಲೆಂ ಕಾಜಾರ್, ಪಾಟಿಂ ನಾ ಆಧಾರ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತಾ ಆವಯ್ಕ್ ತುಜ್ಯಾ
128) ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಘರಾ ರೂಕ್ ಬೆವಾಚೊ, ಆಧಾರ್ ದೆವಾಚೊ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಆವಯ್ಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
129) ಆವಯ್ ಮನಾಂತ್ ಗುಣಸ್ತ್ ಬಾಳ್ ಆಮ್ಚಿ ಆಸ್ತ್, ಪುಣ್ ಶಿಕ್ಯೆಲ್ಯಾ ತುಕಾ ಶಿಸ್ತ್ ಹೊರ್ಕ್ಲೆ ಬಾಪಾಯಿನ್ ತುಜ್ಯಾ
130) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹಾಳಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ವ್ಹಾಳೊನ್ ಗೆಲಿ ಮಾಸ್ಳಿ ಆಯ್ಚ್ಯಾನ್ ಸೊಡ್ ಪಾಸ್ಳಿ ಹೊರ್ಕ್ಲೆ ಅವಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಚಿ.
131) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಖಾರ್ ಕೆಂಳ್ಯಾನ್ ಘಾಲಾ ಮೊಕೊ, ಧುವೆಕ್ ಕಾಜಾರ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಆವಯ್ಕ್ ಜಾಲಾ ದಖೊ.
132) ಆಮ್ಚೊ ಯೆಜ್ಮಾನಿ, ನ್ಹೆಸ್ಲಾ ಚಕ್ರಾಚೆಂ ಪುಡ್ವೆಂ, ಸುರೆಸೊರ್ಯಾಚೆಂ ಕರ್ವೆಂ ಹೊರ್ಕ್ಲೆ ಬಾಪುಯ್ ತುಜೊ.

१३३) रोसाक नारलज ना म्हण येज्मान चडलो माडार, धरलें? ताच्या खाडाक थंयच्या हुंबल्यानी.
१३४) रोसाचा माटवांत सयरीं धाराळ, मन मोवाळ होकले बापायिचें.
१३५) एक शेर वाटून वोतलें आमी तोंद्रा, वर्सां जालीं पंद्रा आमच्ये होकलेक.
१३६) एक रुपोय दिलो, सुता अनी सुवेक, येज्मान काजार करताच मालघाञ्चा धुवेक.
१३७) ह्यावी काजाराक कितें जाला नषट, भोव जाले कषट होकले बापायक तुज्या.
१३८) हाञ्चा जमकाण घाल्या पायांथळा, बेसांव माग बाळा तुज्या व्हडिलां लागीं.
१३९) ह्यावी सयरिकेक नातल्लें आमकां गुमान, मावळो आसा जमान ह्या सयरिकेक.
१४०) होकलेगे बाये गळ्यांत तुज्या बेंतीण, आवय भागल्या खंतीन धुवेक काजार म्हण.
१४१) कासान कासायलें रुवेन पुंजायलें, सक्कड खर्चोन गेलें प्रियाच्या काजाराक.
१४२) काजुची खोली गुड्डायताना वोली, एकच आसल्ली चली येज्मान्यान पयस दिली.
१४३) कोड्याळ थावन आयलीं, उडुपी येवन पावलीं, येज्मानिच्या आपवण्याक हांगा येवन पावलीं.
१४४) कितें उलयल्यारी मनांत तिणें सोसलां, पुताबरी पोसलां, होकले आवयन तुज्या.
१४५) इतलें सक्कड आसोन होकले आतां कितें उणें, बापूय नातल्लें तुजें दुबळें जिणें.
१४६) कळ्यां भितर कळे पर्मळीक पांगळाचे, बापायन केल्लो उपकार फाल्यां चिंतून पळे.
१४७) दऱ्यांत नाचता तें उचांबळ ल्हार, फाल्यां येता तार होकले तुज्या भावाचें.
१४८) दाळिच्या साराक येज्मानीन दिलें पोण्ण, धुवेच्या काजाराक बापायन काडलें रीण.
१४९) तळें सुकलें साळक बावडें जालें, तळहाताच्ये सावळे बापयन वागयलें.
१५०) दोनपारांच्या निसत्याक मीट तिक्के चाप्पे, कानांत केप्पें आमची होकाल बाय.
१५१) माद्रीं भितर माद्र आमचें सिसील बाय, होकाल केप्पें म्हणतेल्यांच्या जिबेक जांव घाय.
१५२) सोप्यार घालीं पानां हातार धरुंक येना, एक्की वोवी नेणा व्हकले आवय तुजी.
१५३) व्हकलेची भयण नांव माडतीन, येज्मानिचे पाडतीन हांव वोवियो म्हणतां.
१५४) बारा रुपोय दीवन हाडलें एक तसत, तेगां पाद्रिंचें मीस फाल्या रेस्पेराक.
१५५) पात फुलोन पातीक आयलीं कणसां, देव कुर्पेचीं उत्रां फाल्यां व्हय म्हण.
१५६) पात फुल्ली पातीक आयलीं कणसां, विगार विचारीत वर्सां तुका कितलीं म्हण.
१५७) पोरलाच्या पोंता बांदल्या एक रुवी, माणकुली वोवी म्हजी होगडायिली.
१५८) पाद्री मीस सांग्ता लोब ताचो लोळता, मिनीन जेजू खेळता ताच्या वांजेलार.
१५९) पाद्री मीस सांग्ता मिरण उलयलो, शेर्मांव कळयलो तांच्या रेस्पेराचो.
१६०) पाद्री मीस सांग्ता, जेजू मरिये वयर, ताणीं दिलां धयर आमच्ये होकलेक.
१६१) पान पान्वेलिचें इडो वांटून खाव्यां, च्यार वोवियो गावन आमची आर्थ पाव्यां.
१६२) वर्साकि एक पावटीं बांदूं आमी किसत, तेगां पाद्रिंचें फेसत तुज्या रेस्पेराक.
१६३) मुखार आयल्या सोमीण पाटल्यान आयल्यांव वोवळ्यो, वांटून दीगे मोवळ्यो पाती कंर्भळ्यांच्यो.
१६४) मांद्री कोवळून मांद्रेचो केलो कोवळो, मानाचो वोवळो मावळो दुबाय ऊरलो?.
१६५) माडाची चुडेती कानाची कोवळी, मानाची व्होवळी भयण पर्गांवांत उरली.
१६६) दऱ्यांत नाचता तें उचांबळ ल्हार, फाल्यां येता तार होकले तुज्या भावाचें

133) ರೊಸಾಕ್ ನಾರ್ಲ್ ನಾ ಮ್ಹಣ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಚಡ್ಲೊ ಮಾಡಾರ್, ಧರ್ಲೆಂ ತಾಚ್ಯಾ ಖಾಡಾಕ್ ಥಂಯ್ಚ್ಯಾ ಹುಂಬ್ಲ್ಯಾನಿ.
134) ರೊಸಾಚಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಸಯ್ರಿಂ ಧಾರಾಳ್, ಮನ್ ಮೊವಾಳ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಬಾಪಾಯಿಚೆಂ.
135) ಏಕ್ ಶಿರ್ ವಾಟುನ್ ವೊತ್ಲೆಂ ಆಮಿ ತೊಂದ್ರಾ, ವರ್ಸಾಂ ಜಾಲಿಂ ಪಂದ್ರಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.
136) ಏಕ್ ರುಪೊಯ್ ದಿಲೊ, ಸುತಾ ಅನಿ ಸುವೆಕ್, ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಕಾಜಾರ್ ಕರ್ತಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾ ಧುವೆಕ್.
137) ಹ್ಯಾವಿ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಕಿತೆಂ ಜಾಲಾ ನಷ್ಟ್, ಭೋವ್ ಜಾಲೆ ಕಷ್ಟ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
138) ಹಾಡ್ಯಾ ಜಮ್ಯಾಕ್ ಘಾಲ್ಯಾ ಪಾಯಾಂಥಳಾ, ಬೆಸಾಂವ್ ಮಾಗ್ ಬಾಳಾ ತುಜ್ಯಾ ವ್ಹಡಿಲಾಂ ಲಾಗಿಂ.
139) ಹ್ಯಾವೀ ಸಯ್ರಿಕೆಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಗುಮಾನ್, ಮಾವ್ಶೊ ಆಸಾ ಜಮಾನ್ ಹ್ಯಾ ಸಯ್ರಿಕೆಕ್.
140) ಹೊಕ್ಲೆಗೆ ಬಾಯೆ ಗಳ್ಯಾಂತ್ ತುಜ್ಯಾ ಬೆಂತಿಣ್, ಆವಯ್ ಭಾಗ್ಲ್ಯಾ ಖಿಂತಿನ್ ಧುವೆಕ್ ಕಾಜಾರ್ ಮ್ಹಣ್.
141) ಕಾಸಾನ್ ಕಾಸಾಯ್ಲೆಂ ರುವೆನ್ ಪುಂಜಾಯ್ಲೆಂ, ಸಕ್ಕಡ್ ಖರ್ಚೊನ್ ಗೆಲೆಂ ಪ್ರಿಯಾಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್.
142) ಕಾಜುಚಿ ಖೊಲಿ ಗುಡ್ಡಾಯ್ತಾನಾ ವ್ರೊಲಿ, ಏಕ್‌ಚ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ ಚಲಿ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾನ್ ಪಯ್ಸ್ ದಿಲಿ.
143) ಕೊಡ್ಯಾಳ್ ಥಾವ್ನ್ ಆಯ್ಲಿಂ, ಉಡುಪಿ ಯೇವ್ನ್ ಪಾವ್ಲಿಂ, ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಆಪವ್ಣ್ಯಾಕ್ ಹಾಂಗಾ ಯೆವ್ನ್ ಪಾವ್ಲಿಂ.
144) ಕಿತೆಂ ಉಲಯ್ಲ್ಯಾರೀ ಮನಾಂತ್ ತಿಚೆಂ ಸೊಸ್ಲಾಂ, ಪುತಾಬರಿ ಪೊಸ್ಲಾಂ, ಹೊಕ್ಲೆ ಆವಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ.
145) ಇತ್ಲೆಂ ಸಕ್ಕಡ್ ಆಸೊನ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಆತಾಂ ಕಿತೆಂ ಉಣೆಂ, ಬಾಪುಯ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ತುಜೆಂ ದುಬ್ಳೆಂ ಜಿಣೆಂ.
146) ಕಳ್ಯಾಂ ಭಿತರ್ ಕಳಿ ಪರ್ಮಳಿಕ್ ಪಾಂಗ್ಳಾಚಿ, ಬಾಪಾಯ್ನ್ ಕೆಲ್ಲೊ ಉಪ್ಕಾರ್ ಘಾಲ್ಯಾಂ ಚೆಂತುನ್ ಪಳೆ.
147) ದರ್ಯಾಂತ್ ನಾಚ್ತಾ ತೆಂ ಉಬಾಂಬಳ್ ಲ್ಹಾರ್, ಘಾಲ್ಯಾಂ ಯೆತಾ ತಾರ್ ಹೊಕ್ಲೆ ತುಜ್ಯಾ ಭಾವಾಚೆಂ.
148) ದಾಳಿಚ್ಯಾ ಸಾರಾಕ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್ ದಿಲೆಂ ಪೊಣ್ಣ್, ಧುವೆಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ಕಾಡ್ಲೆಂ ರೀಣ್.
149) ತಳೆಂ ಸುಕ್ಲೆಂ ಸಾಳಕ್ ಬಾವ್ಡೆಂ ಜಾಲೆಂ, ತಳ್ಹಾತಾಚ್ಯೆ ಸಾವ್ಳೆ ಬಾಪಯ್ನ್ ವಾಗಯ್ಲೆಂ.
150) ದೊನ್ಪಾರಾಂಚ್ಯಾ ನಿಸ್ತ್ಯಾಕ್ ಮೀಟ್ ತಿಕ್ಕೆ ಚಾಪ್ಪೆ, ಕಾನಾಂತ್ ಕೆಪ್ಪೆಂ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
151) ಮಾದ್ರಿಂ ಭಿತರ್ ಮಾದ್ರ್ ಆಮ್ಚೆಂ ಸಿಸಿಲ್ ಬಾಯ್, ಹೊಕಾಲ್ ಕೆಪ್ಪೆಂ ಮ್ಹಣ್ತಲ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಜಿಬೆಕ್ ಜಾಂವ್ ಫಾಯ್.
152) ಸೊಪ್ಯಾರ್ ಘಾಲಿಂ ಪಾನಾಂ ಹಾತಾರ್ ಧರುಂಕ್ ಯೇನಾ, ಎಕ್ಕೀ ವೊವಿ ನೆಣಾ ವ್ಹಕ್ಲ ಆವಯ್ ತುಜಿ.
153) ವ್ಹಕ್ಲೆಚಿ ಭಯ್ಣ್ ನಾಂವ್ ಮಾಡ್ತಿನ್, ಯೆಜ್ಮಾನಿಚಿ ಪಾಡ್ತಿನ್ ಹಾಂವ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾಂ.
154) ಬಾರಾ ರುಪೊಯ್ ದೀವ್ನ್ ಹಾಡ್ಲೆಂ ಏಕ್ ತಸ್ತ್, ತೆಗಾಂ ಪಾದ್ರಿಂಚೆಂ ಮೀಸ್ ಘಾಲ್ಯಾ ರೆಸ್ಪಿರಾಕ್.
155) ಪಾತ್ ಪುಲೊನ್ ಪಾತಿಕ್ ಆಯ್ಲಿಂ ಕಣ್ಸಾಂ, ದೇವ್ ಕುರ್ಪೆಚೆಂ ಉತ್ರಾಂ ಘಾಲ್ಯಾಂ ವ್ಹಯ್ ಮ್ಹಣ್.
156) ಪಾತ್ ಪುಲ್ಲಿ ಪಾತಿಕ್ ಆಯ್ಲಿಂ ಕಣ್ಸಾಂ, ವಿಗಾರ್ ವಿಚಾರಿತ್ ವರ್ಸಾಂ ತುಕಾ ಕಿತ್ಲಿಂ ಮ್ಹಣ್.
157) ಪೊರ್ಲಾಚ್ಯಾ ಪೊಂತಾ ಬಾಂದ್ಲ್ಯಾ ಏಕ್ ರುವಿ, ಮಾಣ್ಕುಲಿ ವೊವಿ ಮ್ಹಜಿ ಹೊಗ್ಡಾಯಿಲಿ.
158) ಪಾದ್ರಿ ಮೀಸ್ ಸಾಂಗ್ತಾ ಲೊಬ್ ತಾಚೊ ಲೊಳ್ತಾ, ಮಿನಿನ್ ಜೆಜು ಖೆಳ್ತಾ ತಾಚ್ಯಾ ವಾಂಜೆಲಾರ್.
159) ಪಾದ್ರಿ ಮೀಸ್ ಸಾಂಗ್ತಾ ಮಿರಣ್ ಉಲಯ್ಲೊ, ಶಿರ್ಮಾಂವ್ ಕಳಯ್ಲೊ ತಾಂಚ್ಯಾ ರೆಸ್ಪಿರಾಚೊ.
160) ಪಾದ್ರಿ ಮೀಸ್ ಸಾಂಗ್ತಾ, ಜೆಜು ಮರಿಯೆ ವಯ್ರ್, ತಾಣೆಂ ದಿಲಾಂ ಧಯ್ರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.
161) ಪಾನ್ ಪಾನ್ವಲಿಚೆಂ ಇಡೊ ವಾಂಟುನ್ ಖಾವ್ಯಾಂ, ಚ್ಯಾರ್ ವೊವಿಯೊ ಗಾವ್ನ್ ಆಮ್ಚಿ ಅರ್ಥ್ ಪಾವ್ಯಾಂ.
162) ವರ್ಸಾಕ್ ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಬಾಂದುಂ ಆಮಿ ಕಿಸ್ತ್, ತೆಗಾಂ ಪಾದ್ರಿಂಚೆಂ ಫೆಸ್ತ್ ತುಜ್ಯಾ ರೆಸ್ಪಿರಾಕ್.
163) ಮುಖಾರ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾ ಸೊಮಿಣ್ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾಂವ್ ವೊವ್ಯೊ, ವಾಂಟುನ್ ದೀಗೆ ಮೊವ್ಯೊ ಪಾತಿ ಕರ್ಭಳ್ಯಾಂಚ್ಯೊ.
164) ಮಾಂದ್ರಿ ಕೊವ್ರುನ್ ಮಾಂದ್ರೆಚೊ ಕೆಲೊ ಕೊವ್ರೊ, ಮಾನಾಚೊ ವೊವ್ರೊ ಮಾವ್ಶೊ ದುಬಾಯ್ ಉರ್ಲೊ.
165) ಮಾಡಾಚಿ ಚುಡೆತಿ ಕಾನಾಚಿ ಕೊವ್ಳಿ, ಮಾನಾಚಿ ವ್ಹೊವ್ಳಿ ಭಯ್ಣ್ ಪರ್ಗಾಂವಾಂತ್ ಉರ್ಲಿ.
166) ದರ್ಯಾಂತ್ ನಾಚ್ತಾ ತೆಂ ಉಬಾಂಬಳ್ ಲ್ಹಾರ್. ಘಾಲ್ಯಾಂ ಯೆತಾ ತಾರ್ ಹೊಕ್ಲೆ ತುಜ್ಯಾ ಭಾವಾಚೆಂ.

१६७) बापायन बांदलें घर आचाऱ्यान घडलें दार, सकडांक बरें मागोन फाल्यां भायर सर.
१६८) मण्येर कळो हातांत वावळी, चंद्रेमाची सावळी आमची होकाल बाय.
१६९) सकाळीं उटोन केस वोळायतालें, दुकां गळयतालें आमची होकाल बाय.
१७०) वोडाचें फळ, कावळ्याचें कजें, भिर्मतिचें वोजें, आमची होकाल बाय.
१७१) पानां खुंटून पानांची केली येणां, वांकडें पळेवन नेणा आमची व्हकाल बाय.
१७२) येज्मान्याच्या घरा मुकार काजुची फाड, बोरें मागोन धाड होकले भांवडांक तुज्या.
१७३) येज्मान्याचो माड शिमत्यांनी जड, कुटमान व्हड आमची होकाल बाय.
१७४) येज्मानी बाये पयलें तुजें फळ, गुलोबाचें फूल आमची होकाल बाय.
१७५) सकाळीं उटोन तोंड धू झरी, रुजायचो विगार तुजें रेस्पेर करी.
१७६) सकाळीं उदेल्लो सूऱ्यो सांजेर बुडलो, उमो दितलो फाल्यां म्हाल्देडो.
१७७) रोजिच्या बाज्वेक लायल्या अल्पीण, भावांची रांदपीण आमची व्हकाल बाय.
१७८) आळेन वाटून हाताक आयलो हुलोप, सोभित्त गुलोब आमची व्हकाल बाय.
१७९) पल्तोडचे वाटेक घाल्या कणकिची कांटी, जाण्वायेन जांटी होकले जाव तुजी.
१८०) सकाळीं आयिल्लें वोराण सांजेर रावतालें, उल्याक पावतालें आमची व्हकाल बाय.
१८१) लिल्लीक काजार म्हणोन वल्ली जालो रागार, फुडें कऱ्यां काजार बेंडा तोंबोरान.
१८२) मुकल्यान येता बिस्प पाटल्यान येता किरियाल, किरियालाचें फिल्याद आमची होकाल बाय.
१८३) वयर घर सकयल गाद्याची मेर, मेरे वयलें पेर आमची होकाल बाय.
१८४) अपरोस हाडला सर्वय सुंर्गारून रोसाक बसल्या कुवर्न आमची व्हकाल बाय.
१८५) आल्याच्या वोळीर जीरयां?चें पाळ, आपुरबायेचें बाळ आमची व्हकालबाय.
१८६) आमी बरयलें कागाद पावलें बेळगांवांत, ऊरलोआ पर्गांवांत व्हकले भाव तुजो.
१८७) आंब्याचे फांटे कोयतेन सवोरले, बोरे वावुरले होकले भाव तुजे.
१८८) आमचा वाळणेक काडल्या कलय, चंद्रेमाची सोबाय, आमची व्हकाल बाय.
१८९) आमचा वोडतांत फुलां पर्मळतीत, वज्रां थळताळतीत तुज्या मिनिनार.
१९०) आमच्या घरा मुकार रसबाळ्या केळ्यांचें बोंड, रशीम तोंड आमच्ये होकलेचें.
१९१) आंजेलबाये ही आमच्या घरा मुखार केंळब्यान घालां बोंड, उदकावर्नी थंड आमच्यी व्हकालबाय.
१९२) आकाशीं ताळवें फुल्लें पोपाळ, मन मोवाळ आमच्या व्हकलेचें.
१९३) आडसार नारल तेमेटेर कार्वो, पवित्र आत्मो पार्वो होकलेच्या भुजां वयर.
१९४) आदाळ्ळेलें बोट लागल्लें पाळाक, कोडियाळचें साळक आमची होकाल बाय.
१९५) आदाळ्ळेलें बोट उसाळ्ळेली कात, बेंजाराची वात आमची होकाल बाय.
१९६) आदाळ्ळें बोट उसाळ्ळी कात, आजियेन पोसुल्ली नात आमची व्हकाल बाय.
१९७) इशेड्डाचें पेर इशेड्डार पिकलें, आदृषटान जिकलें आमची होकाल बाय.
१९८) हातांतलो लिंबो उडयिलो दऱ्या, रुपान सूऱ्यो दिसता आमची होकाल बाय.
१९९) हातांत बूल चिमटेंत पूड, गुलोबाचें फूल आमची होकाल बाय.
२००) हातांत धरल्यार इंगळो तळहातच लासता, इतलें पूरा आयकोन व्हकाल मनांत हासता.

67) ಬಾಪಾಯ್ಸ್ ಬಾಂದ್ಲೆಂ ಘರ್ ಆಚಾರ್ಯಾನ್ ಘಡ್ಲೆಂ ದಾರ್, ಸಕ್ಡಾಂಕ್ ಬರೆಂ ಮಾಗೊನ್ ಘಾಲ್ಯಾಂ ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್.
68) ಮಣ್ಕ್ಯಾಂ ಕಳೊ ಹಾತಾಂತ್ ವಾವ್ಳಿ, ಚಂದ್ರಮಾಚಿ ಸಾವ್ಳಿ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
169) ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ಕೆಸ್ ವ್ಹೊಳಾಯ್ತಾಲೆಂ, ದುಕಾಂ ಗಳಯ್ತಾಲೆಂ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
170) ವ್ಹೊಡಾಚೆಂ ಫಳ್, ಕಾವ್ಳ್ಯಾಚೆಂ ಕಜೆಂ, ಭಿರ್ಮತಿಚೆಂ ವ್ಹೊಜೆಂ, ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
171) ಪಾನಾಂ ಖುಂಟುನ್ ಪಾನಾಂಚಿ ಕೆಲಿ ಯೆಣಾಂ, ವಾಂಕ್ಡೆಂ ಪಳೆವ್ನ್ ನೆಣಾ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
172) ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಕಾರ್ ಕಾಜುಚಿ ಫಾಡ್, ಬೊರೆಂ ಮಾಗೊನ್ ಧಾಡ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಭಾಂವ್ಡಾಂಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
173) ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಚೊ ಮಾಡ್ ಶಿಮ್ಟ್ಯಾಂನಿ ಜಡ್, ಕುಟ್ಮಾನ್ ವ್ಹಡ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
174) ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಬಾಯೆ ಪಯ್ಲೆಂ ತುಜೆಂ ಫಳ್, ಗುಲೊಬಾಚೆಂ ಫುಲ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
175) ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ತೊಂಡ್ ಧು ಝುರಿ, ರುಜಾಯ್ಚೊ ವಿಗಾರ್ ತುಜೆಂ ರೆಸ್ಪೆರ್ ಕರಿ.
176) ಸಕಾಳಿಂ ಉದೆಲ್ಲೊ ಸುರ್ಯೊ ಸಾಂಜೆರ್ ಬುಡಲೊ, ಉಮೊ ದಿತಲೊ ಘಾಲ್ಯಾಂ ಮ್ಹಾಲ್ಡೆಡೊ.
177) ರೊಜಿಚ್ಯಾ ಬಾಜ್ವೆಕ್ ಲಾಯ್ಲ್ಯಾ ಅಲ್ಪಿಣ್, ಭಾವಾಂಚಿ ರಾಂದ್ಪಿಣ್ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
178) ಅಳೆನ್ ವಾಟುನ್ ಹಾತಾಕ್ ಆಯ್ಲೊ ಹುಲೊಪ್, ಸೊಭಿತ್ತ್ ಗುಲೊಬ್ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
179) ಪಲ್ತೊಡ್ಲೆ ವಾಟೆಕ್ ಘಾಲ್ಯಾ ಕಣ್ಕಿಚಿ ಕಾಂಟಿ, ಜಾಣ್ವಾಯೆನ್ ಜಾಂಟಿ ಹೊಕ್ಲೆ ಜಾವ್ ತುಜಿ.
180) ಸಕಾಳಿಂ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ವ್ಹೊರಾಣ್ ಸಾಂಜೆರ್ ರಾವ್ತಾಲೆಂ, ಉಲ್ಯಾಕ್ ಪಾವ್ತಾಲೆಂ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
181) ಲಿಲ್ಲಿಕ್ ಕಾಜಾರ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ವಲ್ಲಿ ಜಾಲೊ ರಾಗಾರ್, ಫುಡೆಂ ಕರ್ಯಾಂ ಕಾಜಾರ್ ಬೆಂಡಾ ತೊಂಬೊರಾನ್.
182) ಮುಕ್ಲ್ಯಾನ್ ಯೆತಾ ಬಿಸ್ಪ್ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಯೆತಾ ಕಿರಿಯಾಲ್, ಕಿರಿಯಾಲಾಚೆಂ ಫಿಲ್ಯಾದ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
183) ವಯ್ರ್ ಘರ್ ಸಕಯ್ಲ್ ಗಾದ್ಯಾಚಿ ಮೆರ್, ಮೆರೆ ವಯ್ಲೆಂ ಪೆರ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
184) ಅಪ್ರೊಸ್ ಹಾಡ್ಲಾ ಸರ್ವಯ್ ಸುಂಗ್ರಾರುನ್ ರೊಸಾಕ್ ಬಸ್ಲ್ಯಾ ಕುವರ್ನ್ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
185) ಆಲ್ಯಾಚ್ಯಾ ವ್ಹೊಳಿರ್ ಜಿರ್‍ಯಾಂಚೆಂ ಪಾಳ್, ಆಪುರ್ಬಾಯೆಚೆಂ ಬಾಳ್ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್‌ಬಾಯ್.
186) ಆಮಿ ಬರಯ್ಲೆಂ ಕಾಗಾದ್ ಪಾವ್ಲೆಂ ಬೆಳ್ಗಾಂವಾಂತ್, ಉರ್ಲೊ ಪರ್ಗಾಂವಾಂತ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಭಾವ್ ತುಜೊ.
187) ಆಂಬ್ಯಾಚೆ ಫಾಂಟೆ ಕೊಯ್ತೆನ್ ಸವ್ರೊರ್ಲೆ, ಬೊರೆ ವಾವುರ್ಲೆ ಹೊಕ್ಲೆ ಭಾವ್ ತುಜೆ.
188) ಆಮ್ಚಾ ವಾಳ್ಕೆಕ್ ಕಾಡ್ಲ್ಯಾ ಕಲಯ್, ಚಂದ್ರಮಾಚಿ ಸೊಬಾಯ್, ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
189) ಆಮ್ಚಾ ವ್ಹೊಡ್ತಾಂತ್ ಫುಲಾಂ ಪರ್ಮಳ್ತಿತ್, ವಜ್ರಾಂ ಥಳ್ಕಾಳ್ತಿತ್ ತುಜ್ಯಾ ಮಿನಿನಾರ್.
190) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಕಾರ್ ರಸ್ಚಾಳ್ಯಾ ಕೆಳ್ಯಾಂಚೆಂ ಬೊಂಡ್, ರಶಿಮ್ ತೊಂಡ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಚೆಂ.
191) ಆಂಜೆಲ್‌ಬಾಯೆ ಹಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಖಾರ್ ಕೆಂಳ್ಯಾನ್ ಘಾಲಾಂ ಬೊಂಡ್, ಉದ್ಕಾವರ್ನಿ ಥಂಡ್ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್‌ಬಾಯ್.
192) ಆಕಾಶಿಂ ತಾಳ್ವೆಂ ಘುಲ್ಲೆಂ ಮೊಪಾಳ್, ಮನ್ ಮೊವಾಳ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹಕ್‌ಲೆಚೆಂ.
193) ಆಡ್ವಾರ್ ನಾಲ್ರ್ ತೆಮೆಟೆರ್ ಕಾವ್ರೊ, ಪವಿತ್ರ್ ಆತ್ಮೊ ಪಾವ್ರೊ ಹೊಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಭುಜಾಂ ವಯ್ರ್.
194) ಆದಾಳ್ಗೆಲೆಂ ಬೊಟ್ ಲಾಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ಪಾಳಾಕ್, ಕೊಡಿಯಾಳ್ಚೆಂ ಸಾಳಕ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
195) ಆದಾಳ್ಗೆಲೆಂ ಬೊಟ್ ಉಸಾಳ್ಗೆಲಿ ಕಾತ್, ಬೆಂಜಾರಾಚಿ ವಾತ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
196) ಆದಾಳ್ಗೆಂ ಬೊಟ್ ಉಸಾಳ್ಗಿ ಕಾತ್, ಆಜಿಯೆನ್ ಪ್ರೊಸುಲ್ಲಿ ನಾತ್ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
197) ಇಶೆಡ್ವಾಚೆಂ ಪೆರ್ ಇಶೆಡ್ವಾರ್ ಪಿಕ್ಲೆಂ, ಆದ್ರುಷ್ಟಾನ್ ಜಿಕ್ಲೆಂ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
198) ಹಾತಾಂತ್ಲೊ ಲಿಂಬೊ ಉಡಯಿಲೊ ದರ್ಯಾ, ರುಪಾನ್ ಸುರ್ಯೊ ದಿಸ್ತಾ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
199) ಹಾತಾಂತ್ ಬೂಲ್ ಚಮ್ಕೆಂತ್ ಪ್ರೊಡ್, ಗುಲೊಬಾಚೆಂ ಫುಲ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
200) ಹಾತಾಂತ್ ಧರ್ಲ್ಯಾರ್ ಇಂಗ್ಲೊ ತಳ್ಹಾತ್‌ಚ್ ಲಾಸ್ತಾ, ಇತ್ಲೆಂ ಪ್ರೂರಾ ಆಯ್ಕೊನ್ ವ್ಹಕಾಲ್ ಮನಾಂತ್ ಹಾಸ್ತಾ.

२०१) गळ्याक घालें फिंत, फिंताक घाली पीन, कोसेसांव सायबिणिची सोडेलिटीन आमची होकाल बाय.
२०२) कंरबाळ्याचें पाळ दावे दावीं, होकलेचें गोतीर आसा गांवान गांवीं.
२०३) केस उगवन केसांक तोपल्यो बप्पिन्यो, शेंभोर जणां इषटिण्यो आमचे होकलेक.
२०४) कोसेस माय सयरी, रुजार माय घर्ची, तिणें कुर्पा दिंवची आमच्ये होकलेक.
२०५) रसबाळें केळें साक्रिंत लोळयत, उसक्यार खेळयत आमची होकाल बाय.
२०६) रानांतलो कीर रानांत भोंवात, मनांत रडात आमची होकाल बाय.
२०७) रोसाळ नारल कांत्ताना कार्वो, स्पिरीत सांत पार्वो तुज्ये सर्पोळेर.
२०८) उदाक वोडुंक बांयक गाल्या दोरी, लोबांगेली नारी आमची होकाल बाय.
२०९) उदे उदे दिसा उदेताना तांबसो, चंद्रेमाचो आर्सो आमची होकाल बाय.
२१०) गोंया वेच्ये वाटेर कणिरिचें पीक, मुद्दे वयलें थीक आमची व्हकाल बाय.
२११) गेंद्द्या माडाची कापून काडली शिवडी, बापल्यांची धुवडी आमची होकाल बाय.
२१२) घरा मुकल्या वोडतांत फुल्लां सोभीत शिंवतें, सोभागेचें नेंटें आमची होकाल बाय.
२१३) घर पयस म्हणोन करिनाका चिंता, बरें कुटाम पळेवन व्हकले धाडलां तुका.
२१४) धांवच्या घोड्याक भांदिला पाळा, भियेनाका बाळा म्हणता आवय तुजी.
२१५) दोवा वर्नी धवी, चंद्रा वर्नी तांबडी, एका नेकेत्रा सांगडी, आमची होकाल बाय.
२१६) चोवग जण भाव व्हकले कपोलिंचे तिळे, कुळारिंचे वाटे व्हकले जळों दिवे.
२१७) धव्या कापडाक रस्माची बारीक देग, रुपान माणीक आमची व्हकालबाय.
२१८) व्हडलो भाव दिवो होकले धाकटो भाव ताट, त्या दिव्यांतली वात आमची होकाल बाय.
२१९) फुलां वर्च्या कार्मिणा हाड एक दालें, माद्रिंक वेचें चेडूं काजार कशें जालें?
२२०) इसकोलाच्या भुर्ग्यांचें सोभता रंगाळ आंगलें, माद्रिंक वेचें चेडूं म्हणोन तुका कोणे सांगलें.
२२१) वाणेचो पांय पाजेर निसरलो, दायज्यांक आपवंक येज्मानी विसरलो.
२२२) येज्मान्या राया कितें तुजें चीत, हाच्याकी वर्तें सांत आंतोन बाप दीत.
२२३) येज्मानी बाये, भारी तुजें शुद्ध, मिनीन जेजून खुद्द हांगा येतां म्हळां.
२२४) येज्मानिच्या हुंबरार किरलात घाल्यात वांयगिनी, आपय येज्मानी तुज्या दायज्यांक.
२२५) येज्मानिच्या घरा कोयर बोव जाला, फुलां शिंपीत गेला आमचो मिनीन जेजू.
२२६) आयिल्ले माले, पाट पर्तोन गेले, पांयशी रुपय चडोवन आजियेन आपोयिले.
२२७) आंब्या तुजें लोणचें आल्या तुजी दोस, आपरोसाचो रोस येज्मानीन तयार केला.
२२८) आमचा घरा मुकार सांपेरिचें रान, येज्मानी सोरो दिता व्हडल्या तांबलेरान.
२२९) भितरल्या कुडांत दवरल्या बाल्दी, पयली दी काल्दी आमकां दायज्यांक.
२३०) आमच्या घरा वयल्यान उबोन गेली घोण, मेळोंक ना दोण येज्मान्याच्या दायज्यांक.
२३१) आमच्या ह्या रोसाक सोरया? बाटल्यो बारा, तयार दवरा दिंवच्याक वोवळ्यांक.
२३२) जुजेबापाक व्होवळीक सांगोंक ना म्हण कोणेंयी रागार जांवचें नाका, ताका आपवन हाडुंक येज्मान्यान पयलेंच इडो धाडला.
२३३) आबोलें फुल्लां बांयलागीं, बरया गुणांनी चल व्हकले मांयलागीं.
२३४) आंवदूं लायिल्ली वाल मुखारी जालें ताड, उलो कर्न वाड व्हकले मांवाक तुज्या.
२३५) आयिल्ल्या सयऱ्यांक पाटी करिनाका, काल्दी दिल्या शिवाय बापायक धाडिनाका.

201) ಗಳ್ಯಾಕ್ ಘಾಲೆಂ ಫಿಂತ್, ಫಿಂತಾಕ್ ಘಾಲಿ ಪಿನ್, ಕೊಸೆಸಾಂವ್ ಸಾಯ್ಬಿಣಿಚಿ ಸೊಡೆಲಿಟಿನ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
202) ಕಂಬ್ರ್ಯಾಳ್ಯಾಚೆಂ ಪಾಳ್ ದಾವೆ ದಾವಿಂ, ಹೊಕ್ಲೆಚೆಂ ಗೊತಿರ್ ಆಸಾ ಗಾಂವಾನ್ ಗಾಂವಿಂ.
203) ಕೆಸ್ ಉಗವ್ನ್ ಕೆಸಾಂಕ್ ತೊಪ್ಲ್ಯೊ ಬಪ್ಪಿನ್ಯೊ, ಶೆಂಭೊರ್ ಜಣಾಂ ಇಷ್ಟಿಣ್ಯೊ ಆಮ್ಚೆ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.
204) ಕೊಸೆಸ್ ಮಾಯ್ ಸಯ್ರಿ, ರುಜಾರ್ ಮಾಯ್ ಫರ್ಚೆ, ತಿಣೆಂ ಕುರ್ಪಾ ದಿಂವ್ಚಿ ಆಮ್ಚ್ಯೆ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.
205) ರಸ್ಕಾಳೆಂ ಕೆಳೆಂ ಸಾಕ್ರಿಂತ್ ಲೊಳಯ್ತ್, ಉಸ್ಕ್ಯಾರ್ ಖೆಳಯ್ತ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
206) ರಾನಾಂತ್ಲೊ ಕೀರ್ ರಾನಾಂತ್ ಭೊಂವಾತ್, ಮನಾಂತ್ ರಡಾತ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
207) ರೊಸಾಳ್ ನಾಲ್ರ್ ಕಾಂತ್ತಾನಾ ಕಾವ್ರೊ, ಸ್ಪಿರಿತ್ ಸಾಂತ್ ಪಾವ್ರೊ ತುಜ್ಯೆ ಸರ್ಪ್ರೊಳೆರ್.
208) ಉದಾಕ್ ವೊಡುಂಕ್ ಬಾಂಯ್ಕ್ ಗಾಲ್ಯಾ ದೊರಿ, ಲೊಬಾಂಗೆಲಿ ನಾರಿ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
209) ಉದೆ ಉದೆ ದಿಸಾ ಉದೆತಾನಾ ತಾಂಬ್ಸೊ, ಚಂದ್ರಮಾಚೊ ಆರ್ಸೊ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
210) ಗೊಂಯಾ ವೆಚ್ಯೆ ವಾಟೆರ್ ಕಣೆರಿಚೆಂ ಪೀಕ್, ಮುದ್ಯೆ ವಯ್ಲೆಂ ಥಿಕ್ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
211) ಗೆಂದ್ದ್ಯಾ ಮಾಡಾಚಿ ಕಾಪುನ್ ಕಾಡ್ಲಿ ಶಿಪ್ಪಿ, ಬಾಪ್ಲ್ಯಾಂಚಿ ಧುವ್ಡಿ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
212) ಘರಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ವೊಡ್ತಾಂತ್ ಫುಲ್ಲಾಂ ಸೊಭಿತ್ ಶಿಂವ್ತೆಂ, ಸೊಭಾಗೆಚೆಂ ನೆಂಟೆಂ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
213) ಘರ್ ಪಯ್ಸ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಕರಿನಾಕಾ ಚಿಂತಾ, ಬರೆಂ ಕುಟಾಮ್ ಪಳೆವ್ನ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಧಾಡ್ಲಾಂ ತುಕಾ.
214) ಧಾಂವ್ಡ್ಯಾ ಘೊಡ್ಯಾಕ್ ಭಾಂದಿಲಾ ಪಾಳಾ, ಭಿಯೆನಾಕಾ ಬಾಳಾ ಮ್ಹಣ್ತಾ ಆವಯ್ ತುಜಿ.
215) ದೊವಾ ವರ್ನಿ ಧವಿ, ಚಂದ್ರಾ ವರ್ನಿ ತಾಂಬ್ಡಿ, ಏಕಾ ನೆಕೆತ್ರಾ ಸಾಂಗ್ಡಿ, ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
216) ಚೊವ್ಗ್ ಜಣ್ ಭಾವ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಕಪೊಲಿಂಚೆ ತಿಳೆ, ಕುಳಾರಿಂಚೆ ವಾಟೆ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಜಳೊಂ ದಿವೆ.
217) ಧವ್ಯಾ ಕಾಪ್ಡಾಕ್ ರಸ್ಕಾಚಿ ಬಾರಿಕ್ ದೇಗ್, ರುಪಾನ್ ಮಾಣಿಕ್ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ಬಾಯ್.
218) ವ್ಹಡ್ಲೊ ಭಾವ್ ದಿವ್ರೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಧಾಕ್ಟೊ ಭಾವ್ ತಾಟ್, ತ್ಯಾ ದಿವ್ಯಾಂತ್ಲಿ ವಾತ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
219) ಫುಲಾಂ ವರ್ಚ್ಯಾ ಕಾರ್ಮಿಣಾ ಹಾಡ್ ಏಕ್ ದಾಲೆಂ, ಮಾದ್ರಿಂಕ್ ವೆಚೆಂ ಚೆಡುಂ ಕಾಜಾರ್ ಕಶೆಂ ಜಾಲೆಂ?
220) ಇಸ್ಕೊಲಾಚ್ಯಾ ಭುಗರ್ಯಾಂಚೆಂ ಸೊಭ್ತಾ ರಂಗಾಳ್ ಆಂಗ್ಲೆಂ, ಮಾದ್ರಿಂಕ್ ವೆಚೆಂ ಚೆಡುಂ ಮ್ಹಣೊನ್ ತುಕಾ ಕೊಣೆ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ.
221) ವಾಣೆಚೊ ಪಾಂಯ್ ಪಾಜೆರ್ ನಿಸರ್ಲೊ, ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್ ಆಪಂವ್ಕ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ವಿಸರ್ಲೊ.
222) ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾ ರಾಯಾ ಕಿತೆಂ ತುಜೆಂ ಚೇತ್, ಹಾಚ್ಯಾಕೀ ವರ್ತೆಂ ಸಾಂತ್ ಆಂತೊನ್ ಬಾಪ್ ದೀತ್.
223) ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಬಾಯೆ, ಭಾರಿ ತುಜೆಂ ಶುದ್ಧ್, ಮಿನಿನ್ ಜೆಜುನ್ ಖುದ್ದ್ ಹಾಂಗಾ ಯೆತಾಂ ಮ್ಹಳಾಂ.
224) ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಹುಂಬ್ರಾರ್ ಕಿರ್ಲಾತ್ ಘಾಲ್ಯಾತ್ ವಾಂಯ್ಗಿನಿ. ಆಪಯ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ತುಜ್ಯಾ ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್.
225) ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಘರಾ ಕೊಯ್ರ್ ಬೋವ್ ಜಾಲಾ, ಫುಲಾಂ ಶಿಂಪಿತ್ ಗೆಲಾ ಆಮ್ಚೊ ಮಿನಿನ್ ಜೆಜು.
226) ಆಯಿಲ್ಲೆ ಮಾಲೆ, ಪಾಟ್ ಪರ್ತೊನ್ ಗೆಲೆ, ಪಾಂಯ್ಶಿ ರುಪಯ್ ಚಡೊವ್ನ್ ಆಜಿಯೆನ್ ಆಪ್ರೊಯಿಲೆ.
227) ಆಂಬ್ಯಾ ತುಜೆಂ ಲೊಣ್ಚೆಂ ಆಲ್ಯಾ ತುಜಿ ದೊಸ್, ಆಪ್ರೊಸಾಚೊ ರೋಸ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್ ತಯಾರ್ ಕೆಲಾ.
228) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಕಾರ್ ಸಾಂಪೆರಿಚೆಂ ರಾನ್, ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಸೊರೊ ದಿತಾ ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾ ತಾಂಬ್ಲೆರಾನ್.
229) ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಂತ್ ದವರ್ಲ್ಯಾ ಬಾಲ್ದಿ, ಪಯ್ಲಿ ದೀ ಕಾಲ್ದಿ ಆಮ್ಕಾಂ ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್.
230) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ವಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಉಬೊನ್ ಗೆಲಿ ಘೊಣ್, ಮೆಳೊಂಕ್ ನಾ ದೊಣ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಚ್ಯಾ ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್.
231) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ರೊಸಾಕ್ ಸೊರ್‍ಯಾ ಬಾಟ್ಲ್ಯೊ ಬಾರಾ, ತಯಾರ್ ದವರಾ ದಿಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ವೊವ್ಯಾಂಕ್.
232) ಜುಜೆಬಾಪಾಕ್ ವ್ಹೊಫಿಕ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ನಾ ಮ್ಹಣ್ ಕೊಣೆಂಯಿ ರಾಗಾರ್ ಜಾಂವ್ಚೆಂ ನಾಕಾ, ತಾಕಾ ಆಪವ್ನ್ ಹಾಡುಂಕ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾನ್ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ ಇಡೊ ಧಾಡ್ಲಾ.
233) ಆಬೊಲೆಂ ಫುಲ್ಲಾಂ ಬಾಂಯ್ಲಾಗಿಂ, ಬರ್‍ಯಾ ಗುಣಾಂನಿ ಚಲ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ಲಾಗಿಂ.
234) ಆಂವ್ಡಂ ಲಾಯಿಲ್ಲಿ ವಾಲ್ ಮುಖಾರಿ ಜಾಲೆಂ ತಾಡ್, ಉಲೊ ಕರ್ನ್ ವಾಡ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ
235) ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್ ಪಾಟಿ ಕರಿನಾಕಾ, ಕಾಲ್ದಿ ದಿಲ್ಯಾ ಶಿವಾಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ಧಾಡಿನಾಕಾ.

२३६) बाज्येर निदे होकले तिवासे सोड पांय, पुन्याची मांय होकले तुका सदां जाय.
२३७) भायर भितर वेताना पांयांक येती वोडी, बरी कर कडी होकले भाव्यांक तुज्या.
२३८) भायर भितर वेताना आंटी आंटी म्हणतीत, पालवाक धर्न वोडतीत होकले उबगनाका.
२३९) हातांतलो तुवालो वाटेर गळयनाका, भचरां आयल्यार वांकडें पळेयनाका.
२४०) पानां खुंटून पानांचीं केलीं येणां, वांकडें पळेवंक नेणा आमची होकाल बाय.
२४१) लेसाच्या पोंताक बांदल्यो दोन लायो, सांगातिणी बायो आमी मिसाक वेच्यो.
२४२) सन्वारा धू मातें आयतारा घाल तेल, मिसाक आयल्यार आमकां उलोवंक मेळ.
२४३) लोणचें घालुंक बुयांव, आंबे घालुंक दोण, तूं उलयनांय जाल्यार तुमगेर येता कोण.
२४४) बारा मुडे सासांव, तेरा मुडे जिरें, व्हड आसा भिरें होकले व्हरेताचें.
२४५) सकाळीं उटोन बोशियो व्हर तळ्या, जेवणाक येता वेळा होकले देर तुजो.
२४६) सकाळीं उटोन हातांत धर दोर, तूं खंय वेताय जाल्यार नंडांक आपवन व्हर.
२४७) सक्कड काम कर्न मागीर चिक्के बस, मांय मांवाकडे विचार्न कुळारा येवन वच.
२४८) दिसाक पडलें वोत रातीक पडलो दोव, पोळी कर्न दी मोव होकले मांवाक तुज्या.
२४९) नारल कांतून नारलाचें केलें चून, उदाक दी हून होकले मांयक तुज्या.
२५०) नारल कांतून नारलाचो केलो चुरो, भांगार-शिंगार नाका होकले भर्तार पुरो.
२५१) शेर घाल्चे कडेन अर्धो शेर घाल, मुल्केचो नंडायो आयल्यार बुडकुलो वोमतो घाल.
२५२) मिलावाच्या कोयतुलाक चिंचेचें थोरूं, मांय जीवन तारूं व्हकले सांबाळन व्हर.
२५३) मिलावाच्या कोयतुलाक चिंचेचें थोरूं, देवागेलें गोरूं होकले मांय तुजी.
२५४) आकासाचेर उबता घोण, फाल्या येता सून घर उज्वाडावंक.
२५५) इगर्जे हितलांत तांबडी पाचवी माती, शेंबोर जळतीत वाती तुज्या रेस्पेराक.
२५६) इगर्जेच्या हितलांत फुल्ली ती पात, उज्वो दी हात, फाल्यां रेस्पेराक.
२५७) इगर्जेच्या वोडतांत फुल्ली ती दांव, विगार विचारीत नांव तुजें कितें म्हण.
२५८) रुजाय म्हजे माये नाका करुंक पयस, कदेल दवर्न बस ह्या रोसालागीं.
२५९) रुजाय माय येता सामक्या मार्गान, नायका वर्गान तिका बसका दिल्या.
२६०) रुजाय माय आयली वणकली दारा, मान्वाली घरा आमच्या येज्मानिच्या.
२६१) बायेक काजार म्हण पाटली भयण हासता, दुडवांनी कुसता व्हकले मांव तुजो.
२६२) मिसाक वचून हांतुळन बस लेस, पयलो कर तेर्स होकले मांयक तुज्या.
२६३) भितरली मांद्री भायर वोडिनाका, मांय मांद्रेर पडल्यार थंय सोडिनाका.
२६४) भितरली मांद्री भायर कोणे वोडली, कदेल तयार कर्चीं येज्मान्याक गर्ज पडली.
२६५) वर्साक एक पावटी येवन व्हच फेसताक, विसर्नाका आटवंक उपकार फिर्गजे सांताक.
२६६) वालिंतलो बेल कोयतेन बेंडिनाका, विंगड राव्यां म्हण व्हरेताक शिकयनाका.
२६७) मडल कातर्न मडलाचे ईर काडीत, बारीक चिरीत होकले जाव तुजी.
२६८) माळ्या वयलें लोणचें निसण दवर्न काड, उगडास कर्न वाड होकले नंडाव्यांक तुज्या.

236) ಬಾಜ್ಯೆರ್ ನಿದೆ ಹೊಕ್ಲೆ ತಿವಾಸೆ ಸೊಡ್ ಪಾಂಯ್, ಪುನ್ಯಾಚಿ ಮಾಂಯ್ ಹೊಕ್ಲೆ ತುಕಾ ಸದಾಂ ಜಾಯ್.
237) ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ವೆತಾನಾ ಪಾಂಯಾಂಕ್ ಯೆತಿ ವ್ರೊಡಿ, ಬರಿ ಕರ್ ಕಡಿ ಹೊಕ್ಲೆ ಭಾವ್ಯಾಂಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
238) ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ವೆತಾನಾ ಅಂಟಿ ಅಂಟಿ ಮ್ಹಣ್ತಿತ್, ಪಾಲ್ವಾಕ್ ಧರ್ನ್ ವ್ರೊಡ್ತಿತ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಉಬ್ಗನಾಕಾ.
239) ಹಾತಾಂತ್ಲೊ ತುವಾಲೊ ವಾಟೆರ್ ಗಳಯ್ನಾಕಾ, ಭಚ್ರಾಂ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್ ವಾಂಕ್ಡಿಂ ಪಳೆಯ್ನಾಕಾ.
240) ಪಾನಾಂ ಖುಂಟುನ್ ಪಾನಾಂಚಿಂ ಕೆಲಿಂ ಯೆಣಾಂ, ವಾಂಕ್ಡಿಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ನೆಣಾ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
241) ಲೆಸಾಚ್ಯಾ ಪ್ರೊಂತಾಕ್ ಬಾಂದ್ಲ್ಯೊ ದೋನ್ ಲಾಯೊ, ಸಾಂಗಾತಿಣಿ ಬಾಯೊ ಆಮಿ ಮಿಸಾಕ್ ವೆಚ್ಯೊ.
242) ಸನ್ವಾರಾ ಧು ಮಾತೆಂ ಆಯ್ತಾರಾ ಘಾಲ್ ತೆಲ್, ಮಿಸಾಕ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಉಲೊಂವ್ಕ್ ಮೆಳ್.
243) ಲೊಟ್ಟೆಂ ಘಾಲುಂಕ್ ಬುಯಾಂವ್, ಅಂಬೆ ಘಾಲುಂಕ್ ದೊಣ್, ತುಂ ಉಲಯ್ನಾಂಯ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ತುಮ್ಗೆರ್ ಯೆತಾ ಕೊಣ್.
244) ಬಾರಾ ಮುಡೆ ಸಾಸಾಂವ್, ತೆರಾ ಮುಡೆ ಜಿರೆಂ, ವ್ಹಡ್ ಆಸಾ ಭಿರೆಂ ಹೊಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತಾಚೆಂ.
245) ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ಬೊಶಿಯೊ ವ್ಹರ್ ತಳ್ಯಾ, ಜೆವ್ಣಾಕ್ ಯೆತಾ ವೆಳಾ ಹೊಕ್ಲೆ ದೇರ್ ತುಜೊ.
246) ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ಹಾತಾಂತ್ ಧರ್ ದೋರ್, ತುಂ ಖಂಯ್ ವೆತಾಯ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ನಂಡಾಂಕ್ ಆಪವ್ನ್ ವ್ಹರ್.
247) ಸಕ್ಕಡ್ ಕಾಮ್ ಕರ್ನ್ ಮಾಗಿರ್ ಚಿಕ್ಕೆ ಬಸ್, ಮಾಂಯ್ ಮಾಂವಾಕಡೆ ವಿಚಾರ್ನ್ ಕುಳಾರಾ ಯೇವ್ನ್ ವಚ್.
248) ದಿಸಾಕ್ ಪಡ್ಲೆಂ ವ್ರೊತ್ ರಾತಿಕ್ ಪಡ್ಲೊ ದೊವ್, ಪ್ರೊಳಿ ಕರ್ನ್ ದೀ ಮೋವ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
249) ನಾಲ್ಲ್ ಕಾಂತುನ್ ನಾಲ್ಲಾಚೆಂ ಕೆಲೆಂ ಚೂನ್, ಉದಾಕ್ ದೀ ಹುನ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
250) ನಾಲ್ಲ್ ಕಾಂತುನ್ ನಾಲ್ಲಾಚೊ ಕೆಲೊ ಚುರೊ, ಭಾಂಗಾರ್-ಶಿಂಗಾರ್ ನಾಕಾ ಹೊಕ್ಲೆ ಭರ್ತಾರ್ ಪುರೊ.
251) ಶಿರ್ ಘಾಲ್ಚೆ ಕಡೆನ್ ಅರ್ಧೊ ಶಿರ್ ಘಾಲ್, ಮುಲ್ಕೆಚೊ ನಂಡಾಯೊ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಬುಡ್ಕುಲೊ ವ್ರೊಮ್ತೊ ಘಾಲ್.
252) ಮಿಲಾವಾಚ್ಯಾ ಕೊಯ್ತುಲಾಕ್ ಚಂಚೆಚೆಂ ಥೊರುಂ, ಮಾಂಯ್ ಜೀವನ್ ತಾರುಂ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಸಾಂಬಾಳ್ನ್ ವ್ಹರ್.
253) ಮಿಲಾವಾಚ್ಯಾ ಕೊಯ್ತುಲಾಕ್ ಚಂಚೆಚೆಂ ಥೊರುಂ, ದೆವಾಗೆಲೆಂ ಗೊರುಂ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ ತುಜಿ.
254) ಆಕಾಸಾಚೆರ್ ಉಬ್ತಾ ಘೊಣ್, ಘಾಲ್ಯಾ ಯೆತಾ ಸುನ್ ಘರ್ ಉಜ್ವಾಡಾಂವ್ಕ್.
255) ಇಗರ್ಜೆ ಹಿತ್ಲಾಂತ್ ತಾಂಬ್ಡಿ ಪಾಚ್ವೆ ಮಾತಿ, ಶೆಂಬೊರ್ ಜಳ್ತಿತ್ ವಾತಿ ತುಜ್ಯಾ ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್.
256) ಇಗರ್ಜೆಚ್ಯಾ ಹಿತ್ಲಾಂತ್ ಫುಲ್ಲಿ ತಿ ಪಾತ್, ಉಜ್ವೊ ದೀ ಹಾತ್, ಘಾಲ್ಯಾಂ ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್.
257) ಇಗರ್ಜೆಚ್ಯಾ ವ್ರೊಡ್ತಾಂತ್ ಫುಲ್ಲಿ ತಿ ದಾಂವ್. ವಿಗಾರ್ ವಿಚಾರಿತ್ ನಾಂವ್ ತುಜೆಂ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣ್.
258) ರುಜಾಯ್ ಮ್ಹಜೆ ಮಾಯೆ ನಾಕಾ ಕರುಂಕ್ ಪಯ್ಸ್, ಕದೆಲ್ ದವರ್ನ್ ಬಸ್ ಹ್ಯಾ ರೊಸಾಲಾಗಿಂ.
259) ರುಜಾಯ್ ಮಾಯ್ ಯೆತಾ ಸಾಮ್ಕ್ಯಾ ಮಾರ್ಗಾನ್. ನಾಯ್ಕಾ ವರ್ಗಾನ್ ತಿಕಾ ಬಸ್ಕಾ ದಿಲ್ಯಾ.
260) ರುಜಾಯ್ ಮಾಯ್ ಆಯ್ಲಿ ವಣ್ಕಲಿ ದಾರಾ. ಮಾನ್ವಾಲಿ ಘರಾ ಆಮ್ಕ್ಯಾ ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ.
261) ಬಾಯೆಕ್ ಕಾಜಾರ್ ಮ್ಹಣ್ ಪಾಟ್ಲೆ ಭಯ್ಣ್ ಹಾಸ್ತಾ, ದುಡ್ವಾಂನಿ ಕುಸ್ತಾ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂವ್ ತುಜೊ.
262) ಮಿಸಾಕ್ ವಚುನ್ ಹಾಂತುಳ್ನ್ ಬಸ್ ಲೇಸ್. ಪಯ್ಲೊ ಕರ್ ತೇರ್ಸ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
263) ಭಿತರ್ಲಿ ಮಾಂದ್ರಿ ಭಾಯ್ರ್ ವ್ರೊಡಿನಾಕಾ. ಮಾಂಯ್ ಮಾಂದ್ರೆರ್ ಪಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಥಂಯ್ ಸೊಡಿನಾಕಾ.
264) ಭಿತರ್ಲಿ ಮಾಂದ್ರಿ ಭಾಯ್ರ್ ಕೊಣೆ ವ್ರೊಡ್ಲಿ, ಕದೆಲ್ ತಯಾರ್ ಕರ್ಚಿ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಕ್ ಗರ್ಜ್ ಪಡ್ಲಿ.
265) ವರ್ಸಾಕ್ ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿ ಯೇವ್ನ್ ವ್ಹಚ್ ಫೆಸ್ತಾಕ್. ವಿಸರ್ನಾಕಾ ಆಟಂವ್ಕ್ ಉಪ್ಕಾರ್ ಫಿರ್ಗಜೆ ಸಾಂತಾಕ್.
266) ವಾಲಿಂತ್ಲೊ ಬೇಲ್ ಕೊಯ್ತೆನ್ ಬೆಂಡಿನಾಕಾ. ವಿಂಗಡ್ ರಾವ್ಯಾಂ ಮ್ಹಣ್ ವ್ಹರೆತಾಕ್ ಶಿಕಯ್ನಾಕಾ.
267) ಮಡಲ್ ಕಾತರ್ನ್ ಮಡ್ಲಾಚೆ ಇರ್ ಕಾಡಿತ್. ಬಾರಿಕ್ ಚಿರಿತ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಜಾವ್ ತುಜಿ.
268) ಮಾಳ್ಯಾ ವಯ್ಲೆಂ ಲೊಟ್ಟೆಂ ನಿಸಣ್ ದವರ್ನ್ ಕಾಡ್. ಉಗ್ಡಾಸ್ ಕರ್ನ್ ವಾಡ್ ಹೊಕ್ಲೆ ನಂಡಾವ್ಯಾಂಕ್ ತುಜ್ಯಾ.

२६९) माडा तुजो नारल, केंळब्या तुजो गडाय, करिनाका लडाय तुज्या मांयलागीं.
२७०) भितरल्या कुडांत तांब्याचें तसत, जिवान हसत व्हकले मांय तुजी.
२७१) वाटेवयलो पिंपोळ पानाफोडिचो, घडामोडिंचो होकले देर तुजो.
२७२) वोडतांतलें झड कोयतेन बेंडिनाका, उत्रांनी व्हकले मांयक खेंडिनाका.
२७३) येज्मान्याच्या घरा भांगाराची मणय, बरवपी शेणय होकले व्हरेत तुजो.
२७४) येज्मानिच्या हितलांत वालिचीं ताडां, मांयचीं दोन हाडां व्हकले जतन कर.
२७५) येज्मानिच्या हुंबरार आंब्या बोव रूक, थंय भोग सूख शेळे सावळेक.
२७६) आयिल्ल्या सयऱ्यांकडेन बरें कर्न उलय, उत्रांनी भुलय व्हरेताच्या कुटमाक.
२७७) आयिल्ल्या सयऱ्यांक उदक मांद्री दिशी, म्हाल सून जाशी फाल्यां सोजांगेर.
२७८) आयिल्ल्या सयऱ्यांक, बरे म्हणोन होगळ, शेजारी मोगाळ, तुज्या गुणांखाल.
२७९) आयिल्ल्या सयऱ्यांक पाटी करिनाका, जेवाण दिल्या शिवाय तांका धाडिनाका.
२८०) आमचा हुंबरा मुकार केंळब्यान घालां बोंड, उदकावर्नी थंड होकले व्हरेत तुजो.
२८१) आमचा गाद्याक आमी घालें खोरें, व्हरेतागेलें वारें तुज्या जिवाक बरें.
२८२) आमचा घरा पाटल्यान मदराची वाल, मांय भांगार जाल्यार गळ्याक गुंतून घाल.
२८३) आमचा घरा मुकार कासोळेचो येंडो, चाळिसांनी नंडो होकले उबगनाका.
२८४) आमचा घरांत मांय म्हजी म्हाल, साडी हाडिना जाल्यार पिंदीत म्हजे गाल.
२८५) आमच्या हितलांत आंब्याची ससी, फुटोवंक ना मिशी व्हकले व्हरेताक तुज्या.
२८६) हालोन धलोन पाव्यार दांवता रैल, भारी कर्ता स्टायल होकले भैण तुजी.
२८७) राण्येच्या मुकुटाक सोभाय दिता थीक, स्टैल कर्चें हक्क होकले भैणिचें.
२८८) मांद्री सोडवन मांद्रेर दवरलें उशें, कोणें केलें पिशे होकलेक काजाराचें.
२८९) भात बडयताना उबली भाताची कूस, प्रायेची दोस तुका जाल्ल्या बरीच.
२९०) आमच्या गोठ्यांत बांधून घाल्यांत वास्रां, जेवंक येतीत बाचरां व्हकले उबगानाका.
२९१) आमच्या घरा पाटल्यान बांधून गाल्या गाय, मांयक आयला वाय व्हकले तेल लाय.
२९२) आमच्या घरा मुखार भंवता वागूळ, तोंडांत कोगूळ व्हकले नणंद तुजी.
२९३) आमच्या घरा मुखार आसा पाज, पानपाळे भाज व्हकले मांवाक तुज्या.
२९४) आयचे रातीर नीद बोरी काड, फाल्या राती आंकवारपणा गूट सोड.
२९५) गुल्या भितर गुलो अल्सांदो गुलो, फाल्यां घाल्ता झेलो होकले व्हरेत तुका.
२९६) रोसाचे रातीं चांदनें सगळ्यान फांकलां, राणी जाल्या म्हण होकलेक सपण पडलां.
२९७) ह्या घरिंचो येज्मानी खंयगा गेला, चेरेला सैत मायेक हाडुंक गेला.
२९८) ह्यावी माटवांत बारा तेरा दिसां, पयलीं धाडल्यांत मिसां आमचा येज्मान्यान.
२९९) ह्यावी काजाराक बेंड आनी तोंबोर, विस्रानाका हुंबोर व्हकले कुळारिचो.
३००) कोड्याळचें पेंटेंत विकुंक घाल्या बोशी, मोगान चलशी देवागेलें बेसांव जोडशी.
३०१) दोन शेर घाल्चें कडेन तीन शेर घाल, भरल्ले घर फाल्यां थावन सांबाळन व्हर.
३०२) धेंकणो घालो देकून तोंडाक पळेवन हास, मोगाची रास व्हकले मांव तुजो.
३०३) मासळी धरुंक शिडूं, माडार चडोंक खाडूं, मुखारी जांव चेडूं आमच्या होकलेक.

269) ಮಾಡಾ ತುಜೊ ನಾರ್ಲ್, ಕೆಂಳ್ಬ್ಯಾ ತುಜೊ ಗಡಾಯ್, ಕರಿನಾಕಾ ಲಡಾಯ್ ತುಜ್ಯಾ ಮಾಂಯ್‌ಲಾಗಿಂ.

270) ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಂತ್ ತಾಂಬ್ಯಾಚೆಂ ತಸ್ತ್, ಜಿವಾನ್ ಹಸ್ತ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ ತುಜಿ.

271) ವಾಟೆವಯ್ಲೊ ಪಿಂಪ್ರೊಳ್ ಪಾನಾಪ್ರೊಡಿಚೊ, ಘಡಾಮೊಡಿಂಚೊ ಹೊಕ್ಲೆ ದೇರ್ ತುಜೊ.

272) ವ್ಹೊಡ್ತಾಂತ್ಲೆಂ ಝುಡ್ ಕೊಯ್ತಿನ್ ಬೆಂಡಿನಾಕಾ, ಉತ್ರಾಂನಿ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ಕ್ ಖೆಂಡಿನಾಕಾ.

273) ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಭಾಂಗಾರಾಚಿ ಮಣಯ್, ಬರವ್ಪಿ ಶೆಣಯ್ ಹೊಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತ್ ತುಜೊ.

274) ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಹಿತ್ಲಾಂತ್ ವಾಲಿಚೆಂ ತಾಡಾಂ, ಮಾಂಯ್ಚಿಂ ದೋನ್ ಹಾಡಾಂ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಜತನ್ ಕರ್.

275) ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಹುಂಬ್ರಾರ್ ಆಂಬ್ಯಾ ಬೋವ್ ರೂಕ್, ಥಂಯ್ ಭೊಗ್ ಸುಖ್ ಶೆಳೆ ಸಾವ್ಳೆಕ್.

276) ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕಡೆನ್ ಬರೆಂ ಕರ್ನ್ ಉಲಯ್, ಉತ್ರಾಂನಿ ಭುಲಯ್ ವ್ಹರೆತಾಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಕ್.

277) ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್ ಉದಕ್ ಮಾಂದ್ರಿ ದಿಶಿ, ಮ್ಹಾಲ್ ಸುನ್ ಜಾಶಿ ಫಾಲ್ಯಾಂ ಸೊಜಾಂಗೆರ್.

278) ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್, ಬರೆ ಮ್ಹಣೊನ್ ಹೊಗಳ್, ಶೆಜಾರಿ ಮೊಗಾಳ್, ತುಜ್ಯಾ ಗುಣಾಂಖಾಲ್.

279) ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್ ಪಾಟಿ ಕರಿನಾಕಾ, ಜೆವಾಣ್ ದಿಲ್ಯಾ ಶಿವಾಯ್ ತಾಂಕಾ ಧಾಡಿನಾಕಾ.

280) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹುಂಬ್ರಾ ಮುಕಾರ್ ಕೆಂಳ್ಬ್ಯಾನ್ ಫಾಲಾಂ ಬೊಂಡ್, ಉದ್ಕಾವರ್ನಿ ಥಂಡ್ ಹೊಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತ್ ತುಜೊ.

281) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಗಾದ್ಯಾಕ್ ಆಮಿ ಘಾಲೆಂ ಖೊರೆಂ, ವ್ಹರೆತಾಗೆಲೆಂ ವಾರೆಂ ತುಜ್ಯಾ ಜಿವಾಕ್ ಬರೆಂ.

282) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಮದರಾಚಿ ವಾಲ್, ಮಾಂಯ್ ಭಾಂಗಾರ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಗಳ್ಯಾಕ್ ಗುಂತುನ್ ಘಾಲ್.

283) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಕಾರ್ ಕಾಸೊಳೆಚೊ ಯೆಂಡೊ, ಚಾಳಿಸಾಂನಿ ನಂಡೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಉಬ್ಗನಾಕಾ.

284) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾಂತ್ ಮಾಂಯ್ ಮ್ಹಜಿ ಮ್ಹಾಲ್, ಸಾಡಿ ಹಾಡಿನಾ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಪಿಂದಿತ್ ಮ್ಹಜೆ ಗಾಲ್.

285) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹಿತ್ಲಾಂತ್ ಆಂಬ್ಯಾಚಿ ಸಸಿ, ಪುಟೊಂವ್ಕ್ ನಾ ಮಿಶಿ ವ್ಹಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ.

286) ಹಾಲೊನ್ ಧಲೊನ್ ಪಾಟ್ಯಾರ್ ದಾಂವ್ತಾ ರೈಲ್, ಭಾರಿ ಕರ್ತಾ ಸ್ಟಾಯ್ಲ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಭೈಣ್ ತುಜಿ.

287) ರಾಣ್ಯೆಚ್ಯಾ ಮುಕುಟಾಕ್ ಸೊಭಾಯ್ ದಿತಾ ಥಿಕ್. ಸ್ಟೈಲ್ ಕರ್ಚೆಂ ಹಕ್ಕ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಭೈಣಿಚೆಂ.

288) ಮಾಂದ್ರಿ ಸೊಡವ್ನ್ ಮಾಂದ್ರೆರ್ ದವರ್ಲೆಂ ಉಶೆಂ, ಕೊಣೆಂ ಕೆಲೆಂ ಪಿಶೆ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಕಾಜಾರಾಚೆಂ.

289) ಭಾತ್ ಬಡಯ್ತಾನಾ ಉಬ್ಲಿ ಭಾತಾಚಿ ಕೂಸ್, ಪ್ರಾಯೆಚಿ ದೊಸ್ ತುಕಾ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಬರಿಚ್.

290) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಗೊಟ್ಯಾಂತ್ ಬಾಂಧುನ್ ಘಾಲ್ಯಾಂತ್ ವಾಸ್ರಾಂ, ಜೆಂವ್ಕ್ ಯೆತಿತ್ ಬಾಚ್ರಾಂ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಉಬ್ಗನಾಕಾ.

291) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಬಾಂಧುನ್ ಗಾಲ್ಯಾ ಗಾಯ್, ಮಾಂಯ್ಕ್ ಆಯ್ಲಾ ವಾಯ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ತೇಲ್ ಲಾಯ್.

292) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಖಾರ್ ಭಂವ್ತಾ ವಾಗುಳ್, ತೊಂಡಾಂತ್ ಕೊಗುಳ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ನಣಂದ್ ತುಜಿ.

293) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಖಾರ್ ಆಸಾ ಪಾಜ್, ಪಾನ್ಪಾಳೆ ಭಾಜ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ.

294) ಆಯ್ಚೆ ರಾತಿರ್ ನೀದ್ ಚೊರಿ ಕಾಡ್, ಫಾಲ್ಯಾ ರಾತಿ ಆಂಕ್ವಾರ್‌ಪಣಾ ಗುಟ್ ಸೊಡ್.

295) ಗುಲ್ಯಾ ಭಿತರ್ ಗುಲೊ ಅಲ್ಪಾಂದೊ ಗುಲೊ, ಫಾಲ್ಯಾಂ ಫಾಲ್ತಾ ಝುಲೊ ಹೊಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತ್ ತುಕಾ.

296) ರೊಸಾಚೆ ರಾತಿಂ ಚಾಂದ್ಣೆಂ ಸಗ್ಳ್ಯಾನ್ ಫಾಂಕ್ಲಾಂ, ರಾಣಿ ಜಾಲ್ಯಾ ಮ್ಹಣ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಸಪಣ್ ಪಡ್ಲಾಂ.

297) ಹ್ಯಾ ಘರಿಂಚೊ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಖಂಯ್‌ಗಾ ಗೆಲಾ, ಚೆರೆಲಾ ಸೈತ್ ಮಾಯೆಕ್ ಹಾಡುಂಕ್ ಗೆಲಾ.

298) ಹ್ಯಾವಿ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಬಾರಾ ತೆರಾ ದಿಸಾಂ, ಪಯ್ಲಿಂ ಧಾಡ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಮಿಸಾಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾನ್.

299) ಹ್ಯಾವಿ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಬೆಂಡ್ ಆನಿ ತೊಂಬೊರ್, ವಿಸ್ರಾನಾಕಾ ಹುಂಬೊರ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಕುಳಾರಿಚೊ.

300) ಕೊಡ್ಯಾಳ್ಚೆಂ ಪೆಂಟೆಂತ್ ವಿಕುಂಕ್ ಘಾಲ್ಯಾ ಬೊಶಿ, ಮೊಗಾನ್ ಚಲ್ತಿ ದೆವಾಗೆಲೆಂ ಬೆಸಾಂವ್ ಜೊಡ್ತಿ.

301) ದೋನ್ ಶಿರ್ ಘಾಲ್ಚೆಂ ಕಡೆನ್ ತೀನ್ ಶಿರ್ ಘಾಲ್, ಭರ್‌ಲ್ಲೆ ಘರ್ ಫಾಲ್ಯಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಸಾಂಬಾಳ್ನ್ ವ್ಹರ್.

302) ಧೆಂಕ್ಲೊ ಘಾಲೊ ದೆಕುನ್ ತೊಂಡಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಹಾಸ್, ಮೊಗಾಚೆ ರಾಸ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂವ್ ತುಜೊ.

303) ಮಾಸ್ಳೆ ಧರುಂಕ್ ಶಿಡುಂ, ಮಾಡಾರ್ ಚಡೊಂಕ್ ಖಾಡುಂ, ಮುಖಾರಿ ಜಾಂವ್ ಚೆಡುಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.

३०४) नारलाचो रोस लुगटांत बांदून गाळ, येंवच्या वर्सा तुजा उसक्यार खेळों बाळ.
३०५) घरा मुखल्या तळ्याक गुड्याची झर, येंवच्या वर्सा पाळणें धलवंक मन कर.
३०६) धेंकणोंच घालो देकून धरिनाका मनांत, घालोनाका कानांत व्हकले व्हरेताच्या.
३०७) कोळक्या गाद्यांत बारीक आसा गुली, सोभायेची चली मांवान सयरीक केली.
३०८) तापयिल्ल्ये कायलीर करुंक घाल्या भाक्री, म्हातारयाम प्रायेर मांयची कर चाक्री.
३०९) तळ्यांतली मासळी चिळिपिळी उडताली, मित्यो मार्ताली होकाल काजाराक.
३१०) होरेत बाब आसा आमचो खटार, फाल्यां येता सुटार होकले रेस्पेराक.
३११) तळव्या माडाचें मडल कोयत्यान बेंडिनाका, व्हरेताच्या कुटमाक फाल्यां केंडिनाका.
३१२) गुड्या वयल्या गोर्वांक आडावन आंबुडन हाड, धाडावन पोड दी व्हकले तुज्या मांवाक.
३१३) गोव्यांतलीं गोर्वां आंबुडल्यांत राना, नणंद आयिल्लीच वोमतीं घाल आयदानां
३१४) तर्न्या मिर्सांगेचें कातर्न काडलें तुर्माण, रित्वाल फर्माण फाल्या व्हय म्हण.
३१५) तापल्ले कायलीर भाजुंक घाली बाक्री, म्हातारे प्रायेर व्हकले कर मांयची चाक्री.
३१६) रांद्वये भितर रांद्वय कासोळेचो खोलो, सकडांवर्नीं भोळो होकले भावो तुजो.
३१७) रोसाक आयिल्ले वोवळे बांकार मांद्रेर बसा, ताळो भिजंवच्याक आपूट काजुचो आसा.
३१८) तेर्सा वेळार तेर्स, वेर्सा वेळार वेर्स, कुटमाचो तेर्स व्हकले चुकयनाका.
३१९) पोरूं लायलें झाड आंवदूं उरलें ताड, कांय चड उणें जाल्यार कुळारा सांगोन धाड.
३२०) हांगा घाल्ली बाजू बीदऱ्यां वचोन काड, चड उणे आयल्यार बापायक सांगोन धाड.
३२१) घरा पाटीं गुडो गुड्या पाटीं घाट, सांगोन धाडशी जाल्यार होरेत फडीत पाट.
३२२) तोंडान व्हाजतात व्हाजांत्रा, लिवरार दिसतात लेत्रां, विगार शिकयता तीं उत्र व्हरेता जिकून धर.
३२३) रोसाच्या माटवा मावळ्यान धाडला सोरो, जेवणाक वेळ जालो वेग्गीं वांटल्यार बरो.
३२४) मुकल्या बागलार म्हाका पाटल्या बागलार तुका, दोकोर कुंकाड आयल्यार झगडें करिनाका.
३२५) आल्तोडिच्यान म्हाका पल्तोडिच्यान तुका, अपरूप वाटेर म्हेळ्ळ्यार उलवंक उबगानाका.
३२६) बंटवाळचा पेंटेंत विकुंक घालां जिरें, सक्कड आयलां भिरें व्हरेता कुटांब तुजें.
३२७) लागीं मांवाडो म्हणोन व्हरेता सदां वचानाका, कांडी बोंडी रांदून वाडल्यार घर येवन सांगानाका.
३२८) दीस उदेवन दिसाक पडलीं ल्हारां, व्हरेत मेजता व्हरां आपल्या रेस्पेराचीं.
३२९) घाटीं पडलो नारल बंद्रार आयलें खोबरें, विंचून काडलां मोग्रें आमचा व्हरेतान.
३३०) शेजारा इषटाक आजच जाला चेर्को, आंगान बळवंत सार्को आमचो व्हरेत बाब.
३३१) आमच्या घरा मुखार आंदोणेचो सोप, सोरयातचो जोप आमच्या व्हरेताक.
३३२) आल्तारीर मीस, पुल्पुत्रार शेर्मांव, रुजाय मिलार इर्मांव आमचो व्हरेत बाब.
३३३) वाड्यांतले मानेसत आयल्यात हांगा समेसत, पळेवंक दिसता रुपेसत आमचो व्हरेत बाब.
३३४) वालिचे तुद्येर फुल्लें वोवाळ, उत्रान मोवाळ आमचो व्हरेत बाब.

304) ನಾರ್ಲಾಚೊ ರೋಸ್ ಲುಗ್ಟಾಂತ್ ಬಾಂದುನ್ ಗಾಳ್, ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ವರ್ಸಾ ತುಜಾ ಉಸ್ಕ್ಯಾರ್ ಖೆಳೊಂ ಬಾಳ್.
305) ಘರಾ ಮುಖ್ಲ್ಯಾ ತಳ್ಯಾಕ್ ಗುಡ್ಯಾಚಿ ಝುರ್, ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ವರ್ಸಾ ಪಾಳ್ಣಿಂ ಧಲಂವ್ಕ್ ಮನ್ ಕರ್.
306) ಧೆಂಕ್ಲೊಂಚ್ ಫಾಲೊ ದೆಕುನ್ ಧರಿನಾಕಾ ಮನಾಂತ್, ಫಾಲೊನಾಕಾ ಕಾನಾಂತ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತಾಚ್ಯಾ.
307) ಕೊಳ್ಕ್ಯಾ ಗಾದ್ಯಾಂತ್ ಬಾರಿಕ್ ಆಸಾ ಗುಲಿ, ಸೊಭಾಯೆಚಿ ಚಲಿ ಮಾಂವಾನ್ ಸಯ್ರಿಕ್ ಕೆಲಿ.
308) ತಾಪಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಕಾಯ್ಲಿರ್ ಕರುಂಕ್ ಫಾಲ್ಯಾ ಭಾಕ್ರಿ, ಮ್ಹಾತಾರ್ಯಾ ಪ್ರಾಯೆರ್ ಮಾಂಯ್ಚಿ ಕರ್ ಚಾಕ್ರಿ.
309) ತಳ್ಯಾಂತ್ಲಿ ಮಾಸ್ಳಿ ಚಳಿಪಿಳಿ ಉಡ್ತಾಲಿ, ಮಿಟ್ಯೊ ಮಾರ್ತಾಲಿ ಹೊಕಾಲ್ ಕಾಜಾರಾಕ್.
310) ಹೊರೆತ್ ಬಾಬ್ ಆಸಾ ಆಮ್ಚೊ ಖಟಾರ್, ಫಾಲ್ಯಾಂ ಯೆತಾ ಸುಟಾರ್ ಹೊಕ್ಲೆ ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್.
311) ತಳ್ಯಾ ಮಾಡಾಚೆಂ ಮಡಲ್ ಕೊಯ್ತ್ಯಾನ್ ಬೆಂಡಿನಾಕಾ, ವ್ಹರೆತಾಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಕ್ ಫಾಲ್ಯಾಂ ಕೆಂಡಿನಾಕಾ.
312) ಗುಡ್ಯಾ ವಯ್ಲ್ಯಾ ಗೊರ್ವಾಂಕ್ ಆಡಾವ್ನ್ ಆಂಬುಡ್ನ್ ಹಾಡ್, ಧಾಡಾವ್ನ್ ಪ್ರೊಡ್ ದಿ ವ್ಹಕ್ಲೆ ತುಜ್ಯಾ ಮಾಂವಾಕ್.
313) ಗೊಟ್ಯಾಂತ್ಲಿಂ ಗೊರ್ವಾಂ ಆಂಬುಡ್ಲ್ಯಾಂತ್ ರಾನಾ, ನಣಂದ್ ಆಯಿಲ್ಲಿಚ್ ವ್ರೊಮ್ತಿಂ ಫಾಲ್ ಆಯ್ದಾನಾಂ.
314) ತರ್ನ್ಯಾ ಮಿರ್ಸಾಂಗೆಚೆಂ ಕಾತರ್ನ್ ಕಾಡ್ಲೆಂ ತುರ್ಮಾಣ್, ರಿತ್ವಾಲ್ ಫರ್ಮಾಣ್ ಫಾಲ್ಯಾ ವ್ಹಯ್ ಮ್ಹಣ್.
315) ತಾಪ್ಲ್ಲೆ ಕಾಯ್ಲಿರ್ ಭಾಜುಂಕ್ ಫಾಲಿ ಬಾಕ್ರಿ, ಮ್ಹಾತಾರೆ ಪ್ರಾಯೆರ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಕರ್ ಮಾಂಯ್ಚಿ ಚಾಕ್ರಿ.
316) ರಾಂದ್ವಯೆ ಭಿತರ್ ರಾಂದ್ವಯ್ ಕಾಸೊಳೆಚೊ ಖೊಲೊ, ಸಕ್ಡಾಂವರ್ನಿಂ ಭೊಳೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಭಾವ್ಲೊ ತುಜೊ.
317) ರೊಸಾಕ್ ಆಯಿಲ್ಲೆ ವ್ರೊಪ್ಣೆ ಬಾಂಕಾರ್ ಮಾಂದ್ರೆರ್ ಬಸಾ, ತಾಳೊ ಭಿಜಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ಆಪುಟ್ ಕಾಜುಚೊ ಆಸಾ.
318) ತೆರ್ಸಾ ವೆಳಾರ್ ತೇರ್ಸ್, ವೆರ್ಸಾ ವೆಳಾರ್ ವೇರ್ಸ್, ಕುಟ್ಮಾಚೊ ತೇರ್ಸ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಚುಕಯ್ನಾಕಾ.
319) ಪ್ರೊರುಂ ಲಾಯ್ಲೆಂ ಝಾಡ್ ಆಂವ್ದಂ ಉರ್ಲೆಂ ತಾಡ್, ಕಾಂಯ್ ಚಡ್ ಉಣೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಕುಳಾರಾ ಸಾಂಗೊನ್ ಧಾಡ್.
320) ಹಾಂಗಾ ಫಾಲ್ಲೆ ಬಾಜು ಬಿದ್ರ್ಯಾಂ ವಚೊನ್ ಕಾಡ್, ಚಡ್ ಉಣೆ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ಸಾಂಗೊನ್ ಧಾಡ್.
321) ಘರಾ ಪಾಟಂ ಗುಡೊ ಗುಡ್ಯಾ ಪಾಟಂ ಫಾಟ್, ಸಾಂಗೊನ್ ಧಾಡ್ತಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಹೊರೆತ್ ಫಡಿತ್ ಪಾಟ್.
322) ತೊಂಡಾನ್ ವ್ಹಾಜ್ತಾತ್ ವ್ಹಾಜಾಂತ್ರಾ, ಲಿವ್ರಾರ್ ದಿಸ್ತಾತ್ ಲೆತ್ರಾಂ, ವಿಗಾರ್ ಶಿಕಯ್ತಾ ತಿಂ ಉತ್ರಾಂ ವ್ಹರೆತಾ ಜಿಕುನ್ ಧರ್.
323) ರೊಸಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾ ಮಾವ್ಯಾನ್ ಧಾಡ್ಲಾ ಸೊರೊ, ಜೆವ್ಣಾಕ್ ವೇಳ್ ಜಾಲೊ ವೆಗ್ಗಿಂ ವಾಂಟ್ಲ್ಯಾರ್ ಬರೊ.
324) ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಬಾಗ್ಲಾರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಬಾಗ್ಲಾರ್ ತುಕಾ, ದೊಕೊರ್ ಕುಂಕಾಡ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಝುಗ್ಡೆಂ ಕರಿನಾಕಾ.
325) ಆಲ್ತೊಡಿಚ್ಯಾನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಪಲ್ತೊಡಿಚ್ಯಾನ್ ತುಕಾ, ಅಪ್ರೊಪ್ ವಾಟೆರ್ ಮ್ಹೆಳ್ಯಾರ್ ಉಲಂವ್ಕ್ ಉಬ್ಗಾನಾಕಾ.
326) ಬಂಟ್ವಾಳ್ಚ್ಯಾ ಪೆಂಟೆಂತ್ ವಿಕುಂಕ್ ಫಾಲಾಂ ಜಿರೆಂ, ಸಕ್ಕಡ್ ಆಯ್ಲಾಂ ಭಿರೆಂ ವ್ಹರೆತಾ ಕುಟಾಂಬ್ ತುಜೆಂ.
327) ಲಾಗಿಂ ಮಾಂವಾಡೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ವ್ಹರೆತಾ ಸದಾಂ ವಚಾನಾಕಾ, ಕಾಂಡಿ ಜೊಂಡಿ ರಾಂದುನ್ ವಾಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಘರಾ ಯೇವ್ನ್ ಸಾಂಗಾನಾಕಾ.
328) ದೀಸ್ ಉದೆವ್ನ್ ದಿಸಾಕ್ ಪಡ್ಲಿಂ ಲ್ಹಾರಾಂ, ವ್ಹರೆತ್ ಮೆಜ್ತಾ ವ್ಹರಾಂ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ರೆಸ್ಪೆರಾಚೆಂ.
329) ಫಾಟಂ ಪಡ್ಲೊ ನಾರ್ಲ್ ಬಂದ್ರಾರ್ ಆಯ್ಲೆಂ ಖೊಪ್ರೆಂ, ವಿಂಚುನ್ ಕಾಡ್ಲಾಂ ಮೊಗ್ರೆಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾನ್.
330) ಶೆಜಾರಾ ಇಷ್ಟಾಕ್ ಆಜ್‌ಚ್ ಜಾಲಾ ಚೆರ್ಕೊ, ಆಂಗಾನ್ ಬಳ್ವಂತ್ ಸಾರ್ಕೊ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
331) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಖಾರ್ ಆಂದೊಣೆಚೊ ಸೊಪ್, ಸೊರ್ಯಾಚೊ ಜೊಪ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾಕ್.
332) ಆಲ್ತಾರಿರ್ ಮೀಸ್, ಪುಲ್ಪುತ್ರಾರ್ ಶೆರ್ಮಾಂವ್, ರುಜಾಯ್ ಮಿಲಾರ್ ಇರ್ಮಾಂವ್ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
333) ವಾಡ್ಯಾಂತ್ಲೆ ಮಾನೆಸ್ತ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾತ್ ಹಾಂಗಾ ಸಮೆಸ್ತ್, ಪಳೆಂವ್ಕ್ ದಿಸ್ತಾ ರುಪೆಸ್ತ್ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
334) ವಾಲಿಚೆ ತುದ್ವೆರ್ ಪುಲ್ಲೆಂ ವ್ರೊವಾಳ್, ಉತ್ರಾನ್ ಮೊವಾಳ್ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.

३३५) मूग फोडन मुगाची केली दाळ, कुटमाक मोगाळ आमचो व्हरेत बाब.
३३६) भायर भितर वेताना पुताक पोशेताली, सुनेक आशेताली आमची येज्मान.
३३७) मांयचें येज्मानपण सुने अधीन दिलें, सर्गाराज जोडलें व्हरेता बापायन तुज्या.
३३८) माड्येची कांब सूरये?न तासिनाका, काजार जालोय देकून व्हडिलांक केंडिनाका.
३३९) व्हरेता बाबा बोल्सांत तुज्या बेडे, बारा सोद धेडे तुका सांगाताक.
३४०) व्हरेता बाबा मात्यार तुज्या चेपें, बारा भक्तां मधें फाल्यां रेस्पेर तुजें.
३४१) व्हरेता बाबा हात तुजे गोरे, धेडे सोद बरे तुका सांगाताक.
३४२) व्हरेता बाबा तोडोप न्हेस दोडी, दोत थोडी तरी होकाल कुळ्येन बोरी.
३४३) मेज आल्मार कर्न मेजार दवरला गलास, सर्गार जाला उल्लास तुज्ये आजियेक.
३४४) मेज आल्मार कर्न मेजार दवरल्या गिंडी, सर्गार घाल्या दिंबी व्हरेता बापायन तुज्या.
३४५) भितर घाल्ली मांद्री भायर वोडिनाका, काजार जालाय देकून व्हडिलांक केंडिनाका.
३४६) वयल्या रानांत उडोन गेलो वाग, उत्रां फुडे राग आमच्या व्हरेताक.
३४७) येज्मान्याच्या वोडतांत फुल्लीं तीं दुत्रां, रेस्पेराचीं उत्रां व्हरेता जिकून धर.
३४८) वोडतांतल्या झाडाताळवेर फुल्ला बोंगो, अपुरबायेचो गोंडो आमचो व्हरेतबाब.
३४९) येज्मानिच्या हुंबरार व्हड आसा पागर, भोव आसा आधार व्हरेता मिवण्यांचो.
३५०) येज्मानिच्या हातांत भांगाराचो चुडो, सगळो भरला वाडो व्हरेताच्या माटवांत.
३५१) अपरोसाचे बशिये, भांगाराचो बोंवर, रोसाक बसला कुंवर आमचो व्हरेत बाब.
३५२) आल्तारी वयली काल्स, देणे लावन काडल्या, बाळका सयत आयल्या, आमची रुजाय माय.
३५३) आंब्यार जालें तोर आनी बोरीक जालें बोर, व्हकाल नेणतें पोर, व्हरेता जतन कर.
३५४) आवाळ्याच्या रुका मुळा रोंपी कुवाळ्याची, देराच्या काजाराक भावोज दुवाळ्यांची.
३५५) आम्साण मिर्साग वाटुंक वान, दोडो दी मान व्हरेता मिवण्यांक तुज्या.
३५६) नेत्रावती न्हंयत दोंपार भर खुबे, मुंडासगार उबे व्हरेता मिवणे तुजे.
३५७) मागा महिन्यांत पावस बिरबिरो, दोळे मिणकिरो आमचो होरेत बाब.
३५८) माडा वयली पोय हालोन थलोन पडी, दवलत चडली होरेता भयणिंक तुज्या.
३५९) आमच्या हितलांत उडोन गेलो सोसो, उत्रा फुडे हासो आमच्या व्हरेताक.
३६०) आमच्या वाड्यांतली वांकडी तिंकडी वाट, उज्वो दी हात फाल्या रेस्पेराक.
३६१) आमगेल्या माडार आसा एक खुबो, घटमूट उबो आमचो व्हरेत बाब.
३६२) हितलांत चरोन आसा गाय, आंजेलोर्चो राय आमचो होरेत बाब.
३६३) आयतार सोंत सोम्या तुजो दीस, एक उतर सांगोंकनांय दायज्यांक तुवें मुदिये दीस.
३६४) रवीक काजार म्हणोन गांवार खबर गाजली, नव्या सयऱ्यांच्या रोसान राजुची मुसतायकी भिजली.
३६५) उर्वा मयदानार जमो पिश्यांचो, केंच्या मिश्यांचो आमचो व्हरेत बाब.
३६६) कानांक लायलें वोकल दोळ्यांक आयली दीषट, सकडांचो इषट आमचो व्हरेतबाब.
३६७) कांडो बोंडी खावन ताळ्याक येता कणकणें, मांवाड्याचें आणकणें व्हरेता आयकानाका.

335) ಮ್ಹೂಗ್ ಪೊಡ್ಸ್ನ ಮುಗಾಚಿ ಕೆಲಿ ದಾಳ್, ಕುಟ್ಮಾಕ್ ಮೊಗಾಳ್ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
336) ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ವೆತಾನಾ ಪುತಾಕ್ ಪ್ರೊಶೆತಾಲಿ, ಸುನೆಕ್ ಆಶೆತಾಲಿ ಆಮ್ಚಿ ಯೆಜ್ಮಾನ್.
337) ಮಾಂಯ್ಚೆಂ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಪಣ್ ಸುನೆ ಅಧೀನ್ ದಿಲೆಂ, ಸರ್ಗಾರಾಜ್ ಜೊಡ್ಲೆಂ ವ್ಹರೆತಾ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ.
338) ಮಾಡ್ಯೆಚಿ ಕಾಂಬ್ ಸುರ್ಯೆನ್ ತಾಸಿನಾಕಾ, ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲೊಯ್ ದೆಕುನ್ ವ್ಹಡಿಲಾಂಕ್ ಕೆಂಡಿನಾಕಾ.
339) ವ್ಹರೆತಾ ಬಾಬಾ ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ ತುಜ್ಯಾ ಬೆಡೆ, ಬಾರಾ ಸೊದ್ ಧೆಡೆ ತುಕಾ ಸಾಂಗಾತಾಕ್.
340) ವ್ಹರೆತಾ ಬಾಬಾ ಮಾತ್ಯಾರ್ ತುಜ್ಯಾ ಚೆಪೆಂ, ಬಾರಾ ಭಕ್ತಾಂ ಮಧೆಂ ಘಾಲ್ಯಾಂ ರೆಸ್ಪೆರ್ ತುಜೆಂ.
341) ವ್ಹರೆತಾ ಬಾಬಾ ಹಾತ್ ತುಜೆ ಗೊರೆ, ಧೆಡೆ ಸೊದ್ ಬರೆ ತುಕಾ ಸಾಂಗಾತಾಕ್.
342) ವ್ಹರೆತಾ ಬಾಬಾ ತೊಡೊಪ್ ನ್ಹೆಸ್ ದೊಡಿ, ದೋತ್ ಥೊಡಿ ತರೀ ಹೊಕಾಲ್ ಕುಳೈನ್ ಬೊರಿ.
343) ಮೇಜ್ ಆಲ್ತಾರ್ ಕರ್ನ್ ಮೆಜಾರ್ ದವರ್ಲಾ ಗಲಾಸ್, ಸರ್ಗಾರ್ ಜಾಲಾ ಉಲ್ಲಾಸ್ ತುಜ್ಯೆ ಆಜಿಯೆಕ್.
344) ಮೆಜ್ ಆಲ್ತಾರ್ ಕರ್ನ್ ಮೆಜಾರ್ ದವರ್ಲ್ಯಾ ಗಿಂಡಿ, ಸರ್ಗಾರ್ ಘಾಲ್ಯಾ ದಿಂಬಿ ವ್ಹರೆತಾ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ.
345) ಭಿತರ್ ಘಾಲ್ಲಿ ಮಾಂದ್ರಿ ಭಾಯ್ರ್ ವ್ಹೊಡಿನಾಕಾ, ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲಾಯ್ ದೆಕುನ್ ವ್ಹಡಿಲಾಂಕ್ ಕೆಂಡಿನಾಕಾ.
346) ವಯ್ಲ್ಯಾ ರಾನಾಂತ್ ಉಡೊನ್ ಗೆಲೊ ವಾಗ್, ಉತ್ರಾಂ ಘುಡೆ ರಾಗ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾಕ್.
347) ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಚ್ಯಾ ವ್ಹೊಡ್ತಾಂತ್ ಪುಲ್ಲಿಂ ತಿಂ ದುತ್ರಾಂ, ರೆಸ್ಪೆರಾಚಿಂ ಉತ್ರಾಂ ವ್ಹರೆತಾ ಜಿಕುನ್ ಧರ್.
348) ವ್ಹೊಡ್ತಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಝೂಡಾತಾಳ್ಯೆರ್ ಪುಲ್ಲಾ ಬೊಂಗೊ, ಅಪುರ್ಬಾಯೆಚೊ ಗೊಂಡೊ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್‌ಬಾಬ್.
349) ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಹುಂಬ್ರಾರ್ ವ್ಹಡ್ ಆಸಾ ಪಾಗರ್, ಭೊವ್ ಆಸಾ ಆಧಾರ್ ವ್ಹರೆತಾ ಮಿವ್ಣ್ಯಾಂಚೊ.
350) ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ ಭಾಂಗಾರಾಚೊ ಚುಡೊ, ಸಗ್ಳೊ ಭರ್ಲಾ ವಾಡೊ ವ್ಹರೆತಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್.
351) ಅಪ್ರೊಸಾಚೆ ಬಶಿಯೆ, ಭಾಂಗಾರಾಚೊ ಬೊಂವರ್, ರೊಸಾಕ್ ಬಸ್ಲಾ ಕುಂವರ್ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
352) ಆಲ್ತಾರಿ ವಯ್ಲಿ ಕಾಲ್ಸ್, ದೆಣೆ ಲಾವ್ನ್ ಕಾಡ್ಲ್ಯಾ, ಬಾಳ್ಯಾ ಸಯ್ತ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾ, ಆಮ್ಚಿ ರುಜಾಯ್ ಮಾಯ್.
353) ಆಂಬ್ಯಾರ್ ಜಾಲೆಂ ತೋರ್ ಆನಿ ಬೋರಿಕ್ ಜಾಲೆಂ ಬೋರ್, ವ್ಹಕಾಲ್ ನೆತ್ತೆಂ ಪ್ರೋರ್, ವ್ಹರೆತಾ ಜತನ್ ಕರ್.
354) ಆವಾಳ್ಯಾಚ್ಯಾ ರುಕಾ ಮುಳಾ ರೊಂಪಿ ಕುವಾಳ್ಯಾಚಿ, ದೆರಾಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಭಾವ್ರೊಜ್ ದುವಾಳ್ಯಾಂಚಿ.
355) ಆಮ್ಚ್ಯಾನ್ ಮಿಸ್ರಾಂಗ್ ವಾಟುಂಕ್ ವಾನ್, ದೊಡೊ ದೀ ಮಾನ್ ವ್ಹರೆತಾ ಮಿವ್ಣ್ಯಾಂಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
356) ನೇತ್ರಾವತಿ ನ್ಹಂಯ್ತ್ ದೊಂಪಾರ್ ಭರ್ ಖುಬೆ, ಮುಂಡಾಸ್‌ಗಾರ್ ಉಬೆ ವ್ಹರೆತಾ ಮಿವ್ಣೆ ತುಜೆ.
357) ಮಾಗಾ ಮಹಿನ್ಯಾಂತ್ ಪಾವ್ಸ್ ಬಿರ್ಬಿರೊ, ದೊಳೆ ಮಿಣ್ಕಿರೊ ಆಮ್ಚೊ ಹೊರೆತ್ ಬಾಬ್.
358) ಮಾಡಾ ವಯ್ಲಿ ಪ್ರೊಯ್ ಹಾಲೊನ್ ಧಲೊನ್ ಪಡಿ, ದವ್ಲತ್ ಚಡ್ಲಿ ಹೊರೆತಾ ಭಯ್ಣಿಂಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
359) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹಿತ್ಲಾಂತ್ ಉಡೊನ್ ಗೆಲೊ ಸೊಸೊ, ಉತ್ರಾ ಘುಡೆ ಹಾಸೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾಕ್.
360) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವಾಡ್ಯಾಂತ್ಲಿ ವಾಂಕ್ತಿ ತಿಂಕ್ತಿ ವಾಟ್, ಉಜ್ವೊ ದೀ ಹಾತ್ ಘಾಲ್ಯಾ ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್.
361) ಆಮ್ಗೆಲ್ಯಾ ಮಾಡಾರ್ ಆಸಾ ಏಕ್ ಖುಬೊ, ಘಟ್‌ಮುಟ್ ಉಬೊ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
362) ಹಿತ್ಲಾಂತ್ ಚರೊನ್ ಆಸಾ ಗಾಯ್, ಆಂಜೆಲೊಚ್ಯೊ ರಾಯ್ ಆಮ್ಚೊ ಹೊರೆತ್ ಬಾಬ್.
363) ಆಯ್ತಾರ್ ಸೊಂತ್ ಸೊಮ್ಯಾ ತುಜೊ ದೀಸ್, ಏಕ್ ಉತರ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್‌ನಾಂಯ್ ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್ ತುವೆಂ ಮುದಿಯೆ ದೀಸ್.
364) ರವಿಕ್ ಕಾಜಾರ್ ವ್ಹಗೊನ್ ಗಾಂವಾರ್ ಖಬರ್ ಗಾಜ್ಲಿ, ನವ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ರೊಸಾನ್ ರಾಜುಚಿ ಮುಸ್ತಾಯ್ಕಿ ಭಿಜ್ಲಿ.
365) ಉರ್ವಾ ಮಯ್ದಾನಾರ್ ಜಮೊ ಪಿಶ್ಯಾಂಚೊ, ಕೆಂಬ್ಯಾ ಮಿಶ್ಯಾಂಚೊ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
366) ಕಾನಾಂಕ್ ಲಾಯ್ಲೆಂ ವ್ರೊಕ್ಸ್ ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಆಯ್ನಿ ದೀಪ್ಸ್, ಸಕ್ತಾಂಚೊ ಇಷ್ಟ್ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್‌ಬಾಬ್.
367) ಕಾಂಡೊ ಬೊಂಡಿ ಖಾವ್ನ್ ತಾಳ್ಯಾಕ್ ಯೆತಾ ಕಣ್ಕಣೆಂ, ಮಾಂವಾಡ್ಯಾಚೆಂ ಆಣ್ಕಣೆಂ ವ್ಹರೆತಾ ಆಯ್ಕಾನಾಕಾ.

३६८) गुलोबाचा झाडाक उदेवन आयलो बोंगो, शेगुणांचो पुंजो आमचो व्हरेत बाब.
३६९) कोंबियेन काडलीं पिलां उरलो एक कोंबलो, बोंबय बांदला बंगलो आमचा व्हरेतान.
३७०) गोंयचो गोंयकार, भुंयचो भुंयकार, कुवैटचो सावकार आमचो व्हरेत बाब.
३७१) हाडांक मारुंक कोयतो, मासाक घालुंक सिर्को, शेगुणांनी वर्तो आमचो व्हरेत बाब.
३७२) होरेत आमचो बाब आंबाडे धाडायतालो, काजार जायना म्हणोन आमकां हेडायतालो.
३७३) ताणें धाडायलेले आंबाडे आमीं दाडांवचे नैं, वोवळ्यानीं चिडांवचें नैं आमच्या होरेताक.
३७४) तेणे कोण येता तांबड्या कोबायेचो, भुर्ग्या सोबायेचो आमचो व्हरेत बाब.
३७५) दामासकाचे सत्री भांगाराच्यो गळ्यो, सत्रेथळा राणियो व्हरेता भयणी तुज्यो.
३७६) धांवतो घोडो बिदीर उबो केलो, धेड्यांक सोदीत गेलो व्हरेत इसकोलाक.
३७७) धवो घोडो बांदिलो सुंर्गी, रुपान फिंर्गी आमचो व्हरेत बाब.
३७८) कोंब्येन काडलीं पिलां उबोन गेलो कोंबलो, कार्कोळ बांदला बोंगलो आमचा व्हरेतान.
३७९) दिव्यांत तेल, तेल घालुंक ताट, पिटो करा पाट आमच्या होरेताची.
३८०) रोसाच्या वाना घाटनो जालो जड, चरब चड आमच्या होरेताक.
३८१) माघ महिन्यांत पावस बिरबिरो, दोळे मिणकिरो आमचो होरेत बाब.
३८२) येज्मानी बाये मोग तुजो गुपीत, पळेवंक एकदम सोभीत आमचो होरेत बाब.
३८३) घरा आयिल्ल्या सयऱ्यांक वोतून दी वायन, सर्गार आसा भयण होरेता उगडास काड.
३८४) रुकार पिकला पोणोस मुळीं चडतीत भिकणां, अयकानाका शिकणां होरेता होकलेचीं.
३८५) लोबांगेलो चलो गुणांचो फेर्गो, शिकणां आयकोंचो नैं भुर्गो आमचो होरेत बाब.
३८६) गर्दानाच्या गोट्यांत सोभाय दितात गोवळी, भुर्गीं जांवदीत जोवळीं आमच्या होकलेक.
३८७) घराच्या पाक्यार कावळो कर्ता काका, जोवळीं जाल्यार एक म्हाका, एक तुका.
३८८) कायलीर घाल्लो पोळो कर्पोन काळो जालो, व्हरेतान मारलोम दोळो आमच्या व्हकलेक.
३८९) कोड्याळचे पेंटेंत विकुंक घालां आंगलें, दोळो मारलो? म्हणोन तुमकां कोणे सांगलें?
३९०) भितरल्या कुडांत माजारगी हसत, सदां पिडेसत व्हकले मांय तुजी.
३९१) मांय पिडेसत म्हण नाका करुंक चिंता, लागसार दाक्तेर आसा वकत दीवन बरें कर्ता.
३९२) लिंबो कात्रून केलें शरबत, दवलतेचो कोंबलो आमचो होरेत.
३९३) आंबो तासून आंब्याचो केलो कोचोर, दवलतेचो कोंबलो म्हणोन तुमकां कित्याक मोसोर?
३९४) हाडांक मारुंक कोयती मासाक घालुंक शिर्को, पयलो जांव चेर्को आमच्या होकलेक.
३९५) मिलार मारली घांट, रुजाय जाली टांव, चेर्को जाल्यार जांव पिल्याद जोडतां हांव.
३९६) कुट्ट्यांतली सर्पळी कुट्ट्या भितर, व्हरेतान सयरीक केल्या घुटाभितर.
३९७) नवेंबरांत कुडपा जाता सषट, व्हरेतान सयरीक केल्यार तुमकां कितें नषट.
३९८) आमच्या घरावयर आंदोणेची ताळी, काळ्यांतली काळी होरेता होकाल तुजी.
३९९) होरेताच्या बापल्याचो तकलो जाला कड्डो, होकलेक काळी म्हणतेल्यांचो दोळो कुड्डो.
४००) एकच पीळ म्हणोन कोंबी धलयता, तोंडाक आयिल्लें उलयता होरेत आमचो.

368) ಗುಲೊಬಾಚಾ ಝಾಡಾಕ್ ಉದೆವ್ನ್ ಆಯ್ಲೊ ಬೊಂಗೊ, ಶೆಗುಣಾಂಚೊ ಪುಂಜೊ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.

369) ಕೊಂಬಿಯೆನ್ ಕಾಡ್ಲಿಂ ಪಿಲಾಂ ಉರ್ಲೊ ಏಕ್ ಕೊಂಬ್ಲೊ, ಬೊಂಬಯ್ ಬಾಂದ್ಲಾ ಬಂಗ್ಲೊ ಆಮ್ಚಾ ವ್ಹರೆತಾನ್.

370) ಗೊಂಯ್ಚೊ ಗೊಂಯ್ಕಾರ್, ಭುಂಯ್ಚೊ ಭುಂಯ್ಕಾರ್, ಕುವೈಟ್ಚೊ ಸಾವ್ಕಾರ್ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.

371) ಹಾಡಾಂಕ್ ಮಾರುಂಕ್ ಕೊಯ್ತೊ, ಮಾಸಾಕ್ ಘಾಲುಂಕ್ ಸಿಕೊರ್, ಶೆಗುಣಾಂನಿ ವರ್ತೊ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.

372) ಹೊರೆತ್ ಆಮ್ಚೊ ಬಾಬ್ ಆಂಬಾಡೆ ಧಾಡಾಯ್ತಾಲೊ, ಕಾಜಾರ್ ಜಾಯ್ನಾ ಮ್ಹಣೊನ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಹೆಡಾಯ್ತಾಲೊ.

373) ತಾಣಂ ಧಾಡಾಯ್ಲಲೆ ಆಂಬಾಡೆ ಆಮಿಂ ದಾಡಾಂವ್ಚೆ ನ್ಹಂ, ವೊವ್ಯಾನಿಂ ಚಿಡಾಂವ್ಚೆಂ ನ್ಹಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಕ್.

374) ತೆಣ ಕೊಣ್ ಯೆತಾ ತಾಂಬ್ಡ್ಯಾ ಕೊಬಾಯೆಚೊ, ಭುಗ್ರ್ಯಾ ಸೊಬಾಯೆಚೊ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.

375) ದಾಮಾಸ್ಕಾಚೇ ಸತ್ರಿ ಭಾಂಗಾರಾಚ್ಯೊ ಗಳ್ಯೊ, ಸತ್ರೆಥಳಾ ರಾಣಿಯೊ ವ್ಹರೆತಾ ಭಯ್ಣಿ ತುಜ್ಯೊ.

376) ಧಾಂವ್ತ್ರೊ ಘೊಡೊ ಬಿದಿರ್ ಉಬೊ ಕೆಲೊ, ಧೆಡ್ಯಾಂಕ್ ಸೊದಿತ್ ಗೆಲೊ ವ್ಹರೆತ್ ಇಸ್ಕೊಲಾಕ್.

377) ಧವ್ರೊ ಘೊಡೊ ಬಾಂದಿಲೊ ಸುಂಗ್ರಿ, ರುಪಾನ್ ಫಿಂಗ್ರಿ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.

378) ಕೊಂಬ್ಯೆನ್ ಕಾಡ್ಲಿಂ ಪಿಲಾಂ ಉಬೊನ್ ಗೆಲೊ ಕೊಂಬ್ಲೊ, ಕಾರ್ಕೊಳ್ ಬಾಂದ್ಲಾ ಬೊಂಗ್ಲೊ ಆಮ್ಚಾ ವ್ಹರೆತಾನ್.

379) ದಿವ್ಯಾಂತ್ ತೇಲ್, ತೇಲ್ ಘಾಲುಂಕ್ ತಾಟ್, ಪಿಟೊ ಕರಾ ಪಾಟ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಚಿ.

380) ರೊಸಾಚ್ಯಾ ವಾನಾ ಘಾಟ್ನೊ ಜಾಲೊ ಜಡ್, ಚರಬ್ ಚಡ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಕ್.

381) ಮಾಘ ಮಹಿನ್ಯಾಂತ್ ಪಾವ್ಸ್ ಬಿರ್ಬಿರೊ, ದೊಳೆ ಮಿಣ್ಕಿರೊ ಆಮ್ಚೊ ಹೊರೆತ್ ಬಾಬ್.

382) ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಬಾಯೆ ಮೋಗ್ ತುಜೊ ಗುಪಿತ್, ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಏಕ್ದಮ್ ಸೊಭಿತ್ ಆಮ್ಚೊ ಹೊರೆತ್ ಬಾಬ್.

383) ಘರಾ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್ ವೊತುನ್ ದೀ ವಾಯ್ನ್, ಸರ್ಗಾರ್ ಆಸಾ ಭಯ್ಣ್ ಹೊರೆತಾ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಕಾಡ್.

384) ರುಕಾರ್ ಪಿಕ್ಲಾ ಪ್ರೊಣೊಸ್ ಮುಳಿಂ ಚಡ್ತಿತ್ ಭಿಕ್ಣಾಂ, ಅಯ್ಕಾನಾಕಾ ಶಿಕ್ಣಾಂ ಹೊರೆತಾ ಹೊಕ್ಲೆಚಿಂ.

385) ಲೊಬಾಂಗೆಲೊ ಚಲೊ ಗುಣಾಂಚೊ ಘೆರ್ಗೊ, ಶಿಕ್ಣಾಂ ಆಯ್ಕೊಂಚೊ ನ್ಹಂ ಭುರ್ಗೊ ಆಮ್ಚೊ ಹೊರೆತ್ ಬಾಬ್.

386) ಗರ್ದಾನಾಚ್ಯಾ ಗೊಟ್ಯಾಂತ್ ಸೊಭಾಯ್ ದಿತಾತ್ ಗೊವ್ಳಿ, ಭುರ್ಗಿಂ ಜಾಂವ್ದಿತ್ ಜೊವ್ಳಿಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.

387) ಘರಾಚ್ಯಾ ಪಾಕ್ಯಾರ್ ಕಾವ್ಳೊ ಕರ್ತಾ ಕಾಕಾ, ಜೊವ್ಳಿಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಏಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ, ಏಕ್ ತುಕಾ.

388) ಕಾಯ್ಳಿರ್ ಘಾಲ್ಲೊ ಪೊಳೊ ಕರ್ಪೊನ್ ಕಾಳೊ ಜಾಲೊ. ವ್ಹರೆತಾನ್ ಮಾರ್ಲ್ಲೊ ದೊಳೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹಕ್ಲೆಕ್.

389) ಕೊಡ್ಯಾಳ್ಚೆ ಪೆಂಟೆಂತ್ ವಿಕುಂಕ್ ಘಾಲಾಂ ಆಂಗ್ಲೆಂ, ದೊಳೊ ಮಾರ್ಲ್ಲೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ತುಮ್ಕಾಂ ಕೊಣೆ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ?

390) ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಂತ್ ಮಾಜಾರ್‌ಗಿ ಹಸ್ತ್, ಸದಾಂ ಪಿಡೆಸ್ತ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ ತುಜಿ.

391) ಮಾಂಯ್ ಪಿಡೆಸ್ತ್ ಮ್ಹುಣ್ ನಾಕಾ ಕರುಂಕ್ ಚಿಂತಾ, ಲಾಗ್ಸಾರ್ ದಾಕ್ತೆರ್ ಆಸಾ ವಕತ್ ದೀವ್ನ್ ಬರೆಂ ಕರ್ತಾ.

392) ಲಿಂಬೊ ಕಾತ್ರುನ್ ಕೆಲೆಂ ಶರ್ಬತ್, ದವ್ಲತೆಚೊ ಕೊಂಬ್ಲೊ ಆಮ್ಚೊ ಹೊರೆತ್.

393) ಆಂಬೊ ತಾಸುನ್ ಆಂಬ್ಯಾಚೊ ಕೆಲೊ ಕೊಚೊರ್. ದವ್ಲತೆಚೊ ಕೊಂಬ್ಲೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ತುಮ್ಕಾಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಮೊಸೊರ್?

394) ಹಾಡಾಂಕ್ ಮಾರುಂಕ್ ಕೊಯ್ತಿ ಮಾಸಾಕ್ ಘಾಲುಂಕ್ ಶಿಕೊರ್. ಪಯ್ಲೊ ಜಾಂವ್ ಚೆರ್ಕೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.

395) ಮಿಲಾರ್ ಮಾರ್ಲಿ ಘಾಂಟ್. ರುಜಾಯ್ ಜಾಲಿ ಟಾಂವ್. ಚೆರ್ಕೊ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಜಾಂವ್ ಪಿಲ್ಯಾದ್ ಜೊಡ್ತಾಂ ಹಾಂವ್.

396) ಕುಟ್ಮ್ಯಾಂತ್ಲಿ ಸರ್ಪಳಿ ಕುಟ್ಮಾ ಭಿತರ್. ವ್ಹರೆತಾನ್ ಸಯ್ರಿಕ್ ಕೆಲ್ಯಾ ಘುಟಾಭಿತರ್.

397) ನವೆಂಬ್ರಾಂತ್ ಕುಡ್ಪಾ ಜಾತಾ ಸಪ್ಟ್, ವ್ಹರೆತಾನ್ ಸಯ್ರಿಕ್ ಕೆಲ್ಯಾರ್ ತುಮ್ಕಾಂ ಕಿತೆಂ ನಷ್ಟ್.

398) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾವಯ್ರ್ ಆಂದೊಣೆಚಿ ತಾಳಿ, ಕಾಳ್ಯಾಂತ್ಲಿ ಕಾಳಿ ಹೊರೆತಾ ಹೊಕಾಲ್ ತುಜಿ.

399) ಹೊರೆತಾಚ್ಯಾ ಬಾಪ್ಲ್ಯಾಚೊ ತಕ್ಲೊ ಜಾಲಾ ಕಡ್ವೊ. ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಕಾಳಿ ಮ್ಹಣ್ತಲ್ಯಾಂಚೊ ದೊಳೊ ಕುಡ್ವೊ.

400) ಏಕ್‌ಚ್ ಪೀಲ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಕೊಂಬಿ ಧಲಯ್ತಾ. ತೊಂಡಾಕ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ಉಲಯ್ತಾ ಹೊರೆತ್ ಆಮ್ಚೊ.

४०१) माघ मासांत सुबरह्मण्य षषठ, होरेत उलयल्यार तुका कितें नषट.
४०२) इगर्जेचा कुशीन आसा थोर, येज्मान आमची जिबेन बारी जोर.
४०३) येज्मान बाये कित्याकगे वोगी, आपयले घुगी तुज्या दायज्यांक.
४०४) इतल्यो वोवियो म्हणोन पोट आमचें भरलें, आनी थोड्यो म्हणतांव म्हळ्यार पेंकटांत आमच्या धरलें.
४०५) इतले वेर्स गावन, आमकां कितें पाग, तुमच्या रजार मागण्यांत आमकां बरें माग.
४०६) इतल्यो वोव्यो म्हणून ताळो आमचो पडलो, काजुचो दिंवचो येज्मानी खंयसर लिपोन बसलो?
४०७) इतले वेर्स गावन ताळो आमचो पडलो, विसकी, ब्रांडी, सोरो, आमकां दिंवच्याक पडलो.
४०८) हें घर सोबाना म्हणोन, खुर्साक आयलां पाण, पयलो दिला मान येज्मानीन दायज्यांक.
४०९) कोसेस माय येता सामक्या मार्गान, कुलासा वर्गान तिका बसका दिली.
४१०) कोसेस माय येता वाट झाड्या, गगार पाटोळें सोड्या तिच्ये पांय वाटेक.
४११) कोंबो मारला मासाक, नारल फोडला रोसाक, जेवणाक वेळ आसा, वोवळीं सोप्यार बसात.
४१२) गागा म्हळ्यार, सांगश्यात म्हजें नांव, भश्यांत सगळो गांव, गाजवन कितें हांव.
४१३) गोंवाचो उंडो तुपान तापयला, मोगान आपयलां, येज्मानीन दायिज्यांक.
४१४) आंकवार माय फोडी नारल, मरी मागदालेन कांतिकायी, जेजू मरी माय, तेगी रोस लाय.
४१५) माडतू फोडी नारल म्हण मोर्नेल फोडी काय, सांत इजबेली सैत चोवगी रोस लाय.
४१६) देवा बापा, देवा पुत्रा स्पिरीत सांताक, कुर्पेच्या दिसाक येज्मान रोस लायता.
४१७) आपरोसाच्ये वाटलेक भांगाराचो केस, मोगाचो रोस तुका आवय बापायचो.
४१८) आपरोस निडला वयल्यान गळयत, सर्गीं थावन पळेयत होकले बापूय तुजो.
४१९) आपरोसाची वाटली दाविगी उज्वी, पयलो रोस लायता व्हकले/व्हरेता आवय तुजी.
४२०) आपरोसाचे बोशिये मोतियांचो घोस, मोगाचो रोस व्हकले आवयिचो.
४२१) माडाचो खुबो नारलांनी सोभता, मोगाची आवय होकलेक रोस लायता.
४२२) नंडेन घालां लोणचें, जाव घाल्ता दोस, आवय पुसता रोस, होकले नीट बोस.
४२३) आपरोस पुसून, तेंडले मुळांत न्हाणया, एक उतर जाणया, तांच्या पुर्वजांक.
४२४) मिलावाच्या कोयतुलाक चिंचेचें थोरूं, सयरीक केल्ल्या म्हाल्याक देव बरें करूं.
४२५) तेल नासतां तकलो गिरी गिरी तापलो, मोगान आयला बापलो होरेता रोसा माटवांत.
४२६) ह्यावी माटवांत बापले तुजे म्हाल, तुज्या बापायचा खाल बापल्यो रोस लायता.
४२७) बापल्यो रोस लायता, मनांत कितें चिंता, बरेंपण माग्ता, तुज्या काजाराक.
४२८) भाताच्या राशीर, बसोन आसा कावळो, मुंडासगार मावळो आतां रोस लायता.
४२९) पावस आयलो इतलोगी तितलो, उंदीर मुतलो व्होवळ्यांच्या मात्या वयर.
४३०) पावसच आयलो इतलोगी तितलो, उंदीर मुतलो न्हय येज्मानीन रोस लायलो.
४३१) सकाळीं गेल्लो जेरी रातीक आयलो घरीं, येज्मान रोस पुसता लोका बराबरी.
४३२) येज्मानी बाये बारी तुजी मजा, आमकांय दिया रजा रोस पुसुंक.
४३३) मुकार कित्याक उड्डातात पाटल्यान बसा, आयिल्ले वोवळे सक्कड रोस पुसून वचा.

401) ಮಾಘ ಮಾಸಾಂತ್ ಸುಬ್ರಹ್ಮಣ್ಯ ಷಷ್ಠ್, ಹೊರೆತ್ ಉಲಯ್ಲ್ಯಾರ್ ತುಕಾ ಕಿತೆಂ ನಷ್ಟ್.

402) ಇಗರ್ಜೆಚಾ ಕುಶಿನ್ ಆಸಾ ಥೋರ್, ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಆಮ್ಚಿ ಜಿಬೆನ್ ಬಾರಿ ಜೋರ್.

403) ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಬಾಯೆ ಕಿತ್ಯಾಕ್‌ಗೆ ವೊಗಿ, ಆಪಯ್ಲೆ ಘುಗಿ ತುಜ್ಯಾ ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್.

404) ಇತ್ಲ್ಯಾ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ಪೊಟ್ ಆಮ್ಚೆಂ ಭರ್ಲೆಂ, ಆನಿ ಥೊಡ್ಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾಂವ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಪೆಂಕ್ಟ್ಯಾಂತ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಧರ್ಲೆಂ.

405) ಇತ್ಲೆ ವೇಸ್ ಗಾವ್ನ್, ಆಮ್ಕಾಂ ಕಿತೆಂ ಪಾಗ್, ತುಮ್ಚ್ಯಾ ರಜಾರ್ ಮಾಗ್ಣ್ಯಾಂತ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಬರೆಂ ಮಾಗ್.

406) ಇತ್ಲ್ಯಾ ವೊವ್ಯೊ ಮ್ಹಣುನ್ ತಾಳೊ ಆಮ್ಚೊ ಪಡ್ಲೊ, ಕಾಜುಚೊ ದಿಂವ್ಚೊ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಖಂಯ್ಸರ್ ಲಿಪೊನ್ ಬಸ್ಲೊ?

407) ಇತ್ಲೆ ವೇಸ್ ಗಾವ್ನ್ ತಾಳೊ ಆಮ್ಚೊ ಪಡ್ಲೊ, ವಿಸ್ಕಿ, ಬ್ರಾಂಡಿ, ಸೂರೊ, ಆಮ್ಕಾಂ ದಿಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ಪಡ್ಲೊ.

408) ಹೆಂ ಘರ್ ಸೊಬಾನಾ ಮ್ಹಣೊನ್, ಖುಸ್ಸಾರ್ಕ್ ಆಯ್ಲಾಂ ಪಾಣ್, ಪಯ್ಲೊ ದಿಲಾ ಮಾನ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್ ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್.

409) ಕೊಸೆಸ್ ಮಾಯ್ ಯೆತಾ ಸಾಮ್ಕ್ಯಾ ಮಾರ್ಗಾನ್, ಕುಲಾಸಾ ವರ್ಗಾನ್ ತಿಕಾ ಬಸ್ಕಾ ದಿಲಿ.

410) ಕೊಸೆಸ್ ಮಾಯ್ ಯೆತಾ ವಾಟ್ ಝುಡ್ಯಾ, ಗಗಾರ್ ಪಾಟೊಳೆಂ ಸೊಡ್ಯಾ ತಿಚ್ಯೆ ಪಾಂಯ್ ವಾಟೆಕ್.

411) ಕೊಂಬೊ ಮಾರ್ಲಾ ಮಾಸಾಕ್, ನಾರ್ಲ್ ಪೊಡ್ಲಾ ರೊಸಾಕ್, ಜೆವ್ಣಾಕ್ ವೇಳ್ ಆಸಾ, ವೊಫ್ಣಿಂ ಸೊಪ್ಯಾರ್ ಬಸಾತ್.

412) ಗಾಗಾ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್, ಸಾಂಗ್ತ್ಯಾತ್ ಮ್ಹಜೆಂ ನಾಂವ್, ಭರ್ಶ್ಯಾತ್ ಸಗ್ಳೊ ಗಾಂವ್, ಗಾಜವ್ನ್ ಕಿತೆಂ ಹಾಂವ್.

413) ಗೊಂವಾಚೊ ಉಂಡೊ ತುಪಾನ್ ತಾಪಯ್ಲಾ, ಮೊಗಾನ್ ಆಪಯ್ಲಾಂ, ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್ ದಾಯಿಜ್ಯಾಂಕ್.

414) ಆಂಕ್ವಾರ್ ಮಾಯ್ ಫೊಡಿ ನಾರ್ಲ್, ಮರಿ ಮಾಗ್ದಾಲೆನ್ ಕಾಂತಿಕಾಯಿ, ಜೆಜು ಮರಿ ಮಾಯ್, ತೆಗಿ ರೊಸ್ ಲಾಯ್.

415) ಮಾಡ್ತು ಫೊಡಿ ನಾರ್ಲ್ ಮ್ಹಣ್ ಮೊರ್ನೆಲ್ ಫೊಡಿ ಕಾಯ್, ಸಾಂತ್ ಇಜಬೆಲಿ ಸೈತ್ ಚೊವ್ಗಿ ರೋಸ್ ಲಾಯ್.

416) ದೆವಾ ಬಾಪಾ, ದೆವಾ ಪುತ್ರಾ ಸ್ಪಿರಿತ್ ಸಾಂತಾಕ್, ಕುರ್ಪೆಚ್ಯಾ ದಿಸಾಕ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ರೋಸ್ ಲಾಯ್ತಾ.

417) ಆಪ್ರೊಸಾಚ್ಯೆ ವಾಟ್ಲೆಕ್ ಭಾಂಗಾರಾಚೊ ಕೆಸ್, ಮೊಗಾಚೊ ರೊಸ್ ತುಕಾ ಆವಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಚೊ.

418) ಆಪ್ರೊಸ್ ನಿಡ್ಲಾ ವಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಗಳಯ್ತ್, ಸರ್ಗಿಂ ಥಾವ್ನ್ ಪಳೆಯ್ತ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಬಾಪುಯ್ ತುಜೊ.

419) ಆಪ್ರೊಸಾಚೆ ವಾಟ್ಲೆ ದಾವಿಗಿ ಉಜ್ವಿ, ಪಯ್ಲೊ ರೋಸ್ ಲಾಯ್ತಾ ವ್ಹಕ್ಲೆ/ವ್ಹರೆತಾ ಆವಯ್ ತುಜಿ.

420) ಆಪ್ರೊಸಾಚೆ ಬೊಶಿಯೆ ಮೊತಿಯಾಂಚೊ ಘೊಸ್, ಮೊಗಾಚೊ ರೋಸ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಆವಯಿಚೊ.

421) ಮಾಡಾಚೊ ಖುಬೊ ನಾರ್ಲಾಂನಿ ಸೊಭ್ತಾ, ಮೊಗಾಚೆ ಆವಯ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ರೋಸ್ ಲಾಯ್ತಾ.

422) ನಂಡೆನ್ ಫಾಲಾಂ ಲೊಣ್ಚೆಂ. ಜಾವ್ ಫಾಲ್ತಾ ದೊಸ್. ಆವಯ್ ಪುಸ್ತಾ ರೋಸ್. ಹೊಕ್ಲೆ ನೀಟ್ ಬೊಸ್.

423) ಆಪ್ರೊಸ್ ಪುಸುನ್. ತೆಂಡ್ಲೇ ಮುಳಾಂತ್ ನ್ಹಾಣಯಾ. ಏಕ್ ಉತರ್ ಜಾಣಯಾ. ತಾಂಚ್ಯಾ ಪುರ್ವಜಾಂಕ್.

424) ಮಿಲಾವಾಚ್ಯಾ ಕೊಯ್ತುಲಾಕ್ ಚೆಂಚೆಂ ಥೊರುಂ. ಸಯ್ರಿಕ್ ಕೆಲ್ಯಾ ಮ್ಹಾಲ್ಯಾಕ್ ದೇವ್ ಬರೆಂ ಕರುಂ.

425) ತೇಲ್ ನಾಸ್ತಾಂ ತಕ್ಲೊ ಗಿರಿ ಗಿರಿ ತಾಪ್ಲೊ, ಮೊಗಾನ್ ಆಯ್ಲಾ ಬಾಪ್ಲೊ ಹೊರೆತಾ ರೊಸಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್.

426) ಹ್ಯಾವಿ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಬಾಪ್ಲೆ ತುಜೆ ಮ್ಹಾಲ್. ತುಜ್ಯಾ ಬಾಪಾಯ್ಚಾ ಖಾಲ್ ಬಾಪ್ಲ್ಯಾ ರೊಸ್ ಲಾಯ್ತಾ.

427) ಬಾಪ್ಲ್ಯಾ ರೊಸ್ ಲಾಯ್ತಾ. ಮನಾಂತ್ ಕಿತೆಂ ಚಿಂತಾ. ಬರೆಂಪಣ್ ಮಾಗ್ತಾ. ತುಜ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್.

428) ಭಾತಾಚ್ಯಾ ರಾಶಿರ್. ಬಸೊನ್ ಆಸಾ ಕಾವ್ಲೊ. ಮುಂಡಾಸ್‌ಗಾರ್ ಮಾವ್ಲೊ ಆತಾಂ ರೊಸ್ ಲಾಯ್ತಾ.

429) ಪಾವ್ಸ್ ಆಯ್ಲೊ ಇತ್ಲೊಗೀ ತಿತ್ಲೊ. ಉಂದಿರ್ ಮುತ್ಲೊ ವ್ಹೊವ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾ ವಯ್ರ್.

430) ಪಾವ್ಸ್‌ಚ್ ಆಯ್ಲೊ ಇತ್ಲೊಗಿ ತಿತ್ಲೊ. ಉಂದಿರ್ ಮುತ್ಲೊ ನ್ಹಯ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್ ರೋಸ್ ಲಾಯ್ಲೊ.

431) ಸಕಾಳಿಂ ಗೆಲ್ಲೊ ಜೆರಿ ರಾತಿಕ್ ಆಯ್ಲೊ ಘರಿಂ. ಯೆಜ್ಮಾನ್ ರೋಸ್ ಪುಸ್ತಾ ಲೊಕಾ ಬರಾಬರಿ.

432) ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಬಾಯೆ ಬಾರಿ ತುಜಿ ಮಜಾ. ಆಮ್ಕಾಂಯ್ ದಿಯಾ ರಜಾ ರೋಸ್ ಪುಸುಂಕ್.

433) ಮುಕಾರ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಉಡ್ಡಾತಾತ್ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಬಸಾ. ಆಯಿಲ್ಲೆ ವೊವ್ಯೆ ಸಕ್ಕಡ್ ರೋಸ್ ಪುಸುನ್ ವಚಾ.

५.११ न्हावंक वेताना वोवियो

रोसा दिसा तांब्याच्या बाणांत उदाक तापवन दवर्न रोस पुसून जाल्लेंच होरेताक वा होकलेक न्हाणवंक आपवन वर्तात. आवय आनी कुटमाचीं होकलेक वा होरेताक त्या दीस आंकवारपणाचें निमाणें न्हाण न्हाणयतात. न्हावंक उटायताना वा न्हाणयताना म्हणच्यो वोवियो आश्यो आसात.

४३४) तांब्याच्या बाणीं तापयलां पाणीं, आज व्हरेत/व्हकाल नाता न्हाण आंकवारपणी.
४३५) तांब्याच्या बाणांत उदाक तापयलां, न्हावंक आपयलां आमच्या व्हरेताक.
४३६) देळें चडोन वालिंतलीं पानां तुटया, हात दीवन उटया आमच्या होरेताक.
४३७) आयिल्लें तारूं आदाळ्ळें चिकला, हात धरून उकला आमच्या व्हकलेक.
४३८) तांब्याच्या भाणी, तापयलां तांबाण, होकाल न्हावंक वेता बेंडा तोंबोरान.
४३९) उदाक तापवन जालें खरकिलो, आज नावंक वेता सिलवांगेलो पिलो.
४४०) बावेची कांब बावेर तास्या, आपरोसान घास्या आमचा व्हरेताक.
४४१) माड्येची कांब भारीक तास्या, धांबून घास्या आमच्या व्हरेताक.
४४२) माड्येची कांब तासणेन तास, साबू–शिकाय घालन आमचा व्हरेताक घास.
४४३) हाड कुंबारा आव्यांतुलें भाण, आज न्हाता न्हाण व्हरेत आंकवारपणीं.
४४४) मोंतिफेसताक भुर्ग्यांक वांटतात कोबू, आतां लाया साबू आमच्या होरेताक.
४४५) हाड कुंबारा हाड मातियेचें भाण, आयचान संपलें व्हरेता तुजें आंकवार्पण.
४४६) हाड कुंबारा तुजें हव्यातुलें बाण, आज न्हाता न्हाण व्हरेत आंकवारपण.
४४७) दऱ्याच्या ल्हारा सत्री फुलय मोरा, न्हावंक आपवन व्हरा आमचा व्हरेताक.
४४८) पेज जेवंक काश्याची वाटली, आतां नावंक उटली आमची होकाल बाय.
४४९) सांजेचो वेळ चिळिपिळी जाता, गिंड्यांनी न्हाता आमची व्हकाल बाय.
४५०) व्हकलेगे बाये आंग तुजें मोव, साबू घास लोव आज न्हातासताना.
४५१) रोसाच्या वाना घाटनो जालो भोव, आंग तरी मोव आमच्ये होकलेचें.
४५२) पेजेक दोय आनी शिताक दाय, न्हाण्येंत नाता राय आमचो होरेत बाब.

५.१२ रेस्पेराक भायर सर्ताना वोवियो

आदल्या काळार रोसाच्या दूसऱ्या दिसा सकाळीं रेस्पेर आनी उपरांत लग्नाचें काऱ्यें चल्तालें. पूण आजकाल रोसा उपरांतलो दीस सोडन तीसऱ्या दिसा सकाळीं वा सांजेर रेस्पेर आसोन दनपारां वा रातीक लग्नाचीं काऱ्यीं चल्तात.

लग्ना दिसा सकाळीं सांपरदायीक नेसणार होकलेक आनी होरेताक रेस्पेराक तयार कर्तात आनी उपरांत आल्तारी मुखार बेसांवांक उबीं कर्तात. उपरांत कुटमाचीं मालघडीं होकलेक आनी होरेताक बेसांव दितात. ह्या वेळार म्हणच्यो वोवियो आश्यो आसात.

5.11 ನ್ಹಾಂವ್ಕ್ ವೆತಾನಾ ವೊಪಿಯೊ

ರೊಸಾ ದಿಸಾ ತಾಂಬ್ಯಾಚ್ಯಾ ಬಾಣಾಂತ್ ಉದಾಕ್ ತಾಪವ್ನ್ ದವರ್ನ್ ರೋಸ್ ಘಸುನ್ ಜಾಲ್ಲೆಂಚ್ ಹೊರೆತಾಕ್ ವಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ನ್ಹಾಣಂವ್ಕ್ ಆಪವ್ನ್ ವರ್ತಾತ್. ಆವಯ್ ಆನಿ ಕುಟ್ಮಾಚಿಂ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ವಾ ಹೊರೆತಾಕ್ ತ್ಯಾ ದೀಸ್ ಆಂಕ್ವಾರ್‌ಪಣಾಚೆಂ ನಿಮಾಣೆಂ ನ್ಹಾಣ್ ನ್ಹಾಣಯ್ತಾತ್. ನ್ಹಾಂವ್ಕ್ ಉಟಾಯ್ತಾನಾ ವಾ ನ್ಹಾಣಯ್ತಾನಾ ಮ್ಹುಣ್ಚ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ಆಸ್ತ್ಯೊ ಆಸಾತ್.

434) ತಾಂಬ್ಯಾಚ್ಯಾ ಬಾಣಿಂ ತಾಪಯ್ಲ್ಲಾಂ ಪಾಣಿಂ, ಆಜ್ ವ್ಹರೆತ್/ವ್ಹಕಾಲ್ ನಾತಾ ನ್ಹಾಣ್ ಆಂಕ್ವಾರ್‌ಪಣಿ.
435) ತಾಂಬ್ಯಾಚ್ಯಾ ಬಾಣಾಂತ್ ಉದಾಕ್ ತಾಪಯ್ಲ್ಲಾಂ, ನ್ಹಾಂವ್ಕ್ ಆಪಯ್ಲ್ಲಾಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾಕ್.
436) ದೆಳೆಂ ಚಡೊನ್ ವಾಲಿಂತ್ಲಿಂ ಪಾನಾಂ ತುಟಯಾ, ಹಾತ್ ದೀವ್ನ್ ಉಟಯಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಕ್.
437) ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ತಾರುಂ ಆದಾಳ್ಳೆಂ ಚಿಕ್ಲಾ, ಹಾತ್ ಧರುನ್ ಉಕ್ಲಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹಕ್ಲೆಕ್.
438) ತಾಂಬ್ಯಾಚ್ಯಾ ಭಾಣಿ, ತಾಪಯ್ಲ್ಲಾಂ ತಾಂಬಾಣ್, ಹೊಕಾಲ್ ನ್ಹಾಂವ್ಕ್ ವೆತಾ ಬೆಂಡಾ ತೊಂಬೊರಾನ್.
439) ಉದಾಕ್ ತಾಪವ್ನ್ ಜಾಲೆಂ ಖಿರ್‌ಕಿಲೊ, ಆಜ್ ನಾಂವ್ಕ್ ವೆತಾ ಸಿಲ್ವಾಂಗೆಲೊ ಪಿಲೊ.
440) ಬಾವಿಚಿ ಕಾಂಬ್ ಬಾವೆರ್ ತಾಸ್ಯಾ, ಆಪ್ರೊಸಾನ್ ಘಾಸ್ಯಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾಕ್.
441) ಮಾಡ್ಯೆಚಿ ಕಾಂಬ್ ಭಾರೀಕ್ ತಾಸ್ಯಾ, ಧಾಂಬುನ್ ಘಾಸ್ಯಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾಕ್.
442) ಮಾಡ್ಯೆಚಿ ಕಾಂಬ್ ತಾಸ್ತೆನ್ ತಾಸ್, ಸಾಬು-ಶಿಕಾಯ್ ಘಾಲ್ನ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾಕ್ ಘಾಸ್.
443) ಹಾಡ್ ಕುಂಬಾರಾ ಆವ್ಯಾಂತುಲೆಂ ಭಾಣ್, ಆಜ್ ನ್ಹಾತಾ ನ್ಹಾಣ್ ವ್ಹರೆತ್ ಆಂಕ್ವಾರ್‌ಪಣಿಂ.
444) ಮೊಂತಿಫೆಸ್ತಾಕ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ವಾಂಟ್ತಾತ್ ಕೊಬು, ಆತಾಂ ಲಾಯಾ ಸಾಬು ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಕ್.
445) ಹಾಡ್ ಕುಂಬಾರಾ ಹಾಡ್ ಮಾತಿಯೆಚೆಂ ಭಾಣ್, ಆಯ್ಚ್ಯಾನ್ ಸಂಪ್ಲೆಂ ವ್ಹರೆತಾ ತುಜೆಂ ಆಂಕ್ವಾರ್ಪಣ್.
446) ಹಾಡ್ ಕುಂಬಾರಾ ತುಜೆಂ ಹವ್ಯಾತುಲೆಂ ಬಾಣ್, ಆಜ್ ನ್ಹಾತಾ ನ್ಹಾಣ್ ವ್ಹರೆತ್ ಆಂಕ್ವಾರ್‌ಪಣ್.
447) ದರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಲ್ಹಾರಾ ಸತ್ರಿ ಫುಲಯ್ ಮೊರಾ. ನ್ಹಾಂವ್ಕ್ ಆಪವ್ನ್ ವ್ಹರಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾಕ್.
448) ಪೇಜ್ ಜೇಂವ್ಕ್ ಕಾಶ್ಯಾಚಿ ವಾಟ್ಲಿ, ಆತಾಂ ನಾಂವ್ಕ್ ಉಟ್ಲಿ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
449) ಸಾಂಜೆಚೊ ವೇಳ್ ಚಿಳಿಪಿಳಿ ಜಾತಾ. ಗಿಂಡ್ಯಾಂನಿ ನ್ಹಾತಾ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
450) ವ್ಹಕ್ಲೆಗೆ ಬಾಯೆ ಆಂಗ್ ತುಜೆಂ ಮೋವ್, ಸಾಬು ಘಾಸ್ ಲೋವ್ ಆಜ್ ನ್ಹಾತಾಸ್ತಾನಾ.
451) ರೊಸಾಚ್ಯಾ ವಾನಾ ಘಾಟ್ನೊ ಜಾಲೊ ಭೋವ್. ಆಂಗ್ ತರೀ ಮೋವ್ ಆಮ್ಚ್ಯೆ ಹೊಕ್ಲೆಚೆಂ.
452) ಪೆಜೆಕ್ ದೊಯ್ ಆನಿ ಶಿತಾಕ್ ದಾಯ್, ನ್ಹಾಣ್ಯೆಂತ್ ನಾತಾ ರಾಯ್ ಆಮ್ಚೊ ಹೊರೆತ್ ಬಾಬ್.

5.12 ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ತಾನಾ ವೊಪಿಯೊ

ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ರೊಸಾಚ್ಯಾ ದುಸ್ರ್ಯಾ ದಿಸಾ ಸಕಾಳಿಂ ರೆಸ್ಪೆರ್ ಆನಿ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಲಗ್ನಾಚೆಂ ಕಾರ್ಯೆಂ ಚಲ್ತಾಲೆಂ. ಪುಣ್ ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ರೊಸಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ಲೊ ದೀಸ್ ಸೊಡ್ನ್ ತಿಸ್ರ್ಯಾ ದಿಸಾ ಸಕಾಳಿಂ ವಾ ಸಾಂಜೆರ್ ರೆಸ್ಪೆರ್ ಆಸೊನ್ ದನ್ಪಾರಾಂ ವಾ ರಾತಿಕ್ ಲಗ್ನಾಚೆಂ ಕಾರ್ಯೆಂ ಚಲ್ತಾತ್.

ಲಗ್ನಾ ದಿಸಾ ಸಕಾಳಿಂ ಸಾಂಪ್ರದಾಯಿಕ್ ನೆಸ್ಪಾರ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಆನಿ ಹೊರೆತಾಕ್ ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ತಯಾರ್ ಕರ್ತಾತ್ ಆನಿ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಆಲ್ತಾರಿ ಮುಖಾರ್ ಜೆಸಾಂವಾಂಕ್ ಉಭಿಂ ಕರ್ತಾತ್. ಉಪ್ರಾಂತ್ ಕುಟ್ಮಾಚಿಂ ಮಾಲ್ಘಡಿಂ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಆನಿ ಹೊರೆತಾಕ್ ಜೆಸಾಂವ್ ದಿತಾತ್. ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ಆಸ್ತ್ಯೊ ಆಸಾತ್.

४५३) रेस्पेराक भायर सरतात व्हरेत, भायर भितर करता, पयलें बेसांव माग्ता देवाबापालागीं.
४५४) रेस्पेराक तयार जाला व्हरेत, भायर भितर व्हेता, दुस्रें बेसांव माग्ता व्हरेत देवापुत्रालागीं.
४५५) रेस्पेराक तयार जाला व्हरेत, भायर भितर व्हेता, तिस्रें बेसांव माग्ता व्हरेत स्पिरीत सांतालागीं.
४५६) रेस्पेराक तयार जाला व्हरेत, भायर भितर व्हेता, चवतें बेसांव माग्ता व्हरेत आपल्या बापयलागीं.
४५७) रेस्पेराक तयार जाला व्हरेत, भायर भितर व्हेता, पाचवें बेसांव माग्ता व्हरेत आपल्या आवयलागीं.
४५८) रेस्पेराक तयार जाला व्हरेत, भायर भितर व्हेता, सवें बेसांव माग्ता व्हरेत समेसत पर्जेलागीं.
४५९) मोल दिलां येज्मान्यान लुगटाच्या पेसाक, रेस्पेराच्या भेसाक होकाल आयती जाल्या.
४६०) मोल दिलां येज्मान्यान गर्नाळीं खजन्यांक, व्हकाल आयती जाल्या रेस्पेराच्या भेसाक.
४६१) रेस्पेराक भायर सर्ता व्हरेत भायर भितर वेता, चिंतून कंगाल जाता आमचो व्हरेत बाब.
४६२) रेस्पेराक वेता व्हरेत सांगाताक कोण, सांतिस्सिमा त्रिंदादिचो दुस्रो जण.
४६३) रेस्पेराक वेता व्हरेत मतिंत धर्न तेसांव, दीगे माये बेसांव सायबिणी कोसेसांव.
४६४) मोंती सायबिणिच्या फेसताक दोगांय इर्मांव, बिस्प सायबाचो शेर्मांव तांच्या रेस्पेराक.
४६५) रेस्पेराक वेता व्हरेत बेंडा आनी तोंबोरान, पाटीं येताना ये व्हकलेच्या सांगातान.
४६६) रेस्पेराक वेता व्हरेता दसतुरेच्या दरबारान, पाटीं येताना ये कसतुरेच्या पर्मळान.
४६७) रेस्पेराक वेता व्हरेत चलोंक नोजो म्हणता पायांनी, मावळ्या रायांनी फाल्की हाडयिली.
४६८) रेस्पेराचो भेस बांदला एक्ये दोरिये, बेसांव दीगे माये सर्गिंचे विर्जा मऱ्ये.
४६९) भांगाराचें सुरियेक रुप्याचें थोरूं, रेस्पेर केल्ल्या विगाराक देव बरें करूं.
४७०) सांताक्रूज कोवेंतांत धा बारा माद्री, तेग जण पाद्री तुज्या रेस्पेराक.
४७१) पाल्केर बसलेल्या व्हरेता पाटीं पळोवन चोय, मिवणो दीत बोय तुज्ये पाल्केक.
४७२) व्हरेता बाबा दोडते केल्यात घोडे, बारा काणघे, धेडे तुज्या प्रायेचे.
४७३) रेस्पेराक वेता व्हरेत ताळू ताची तापली, सत्री दिली आपली रुजाय विगारान.
४७४) रेस्पराक वेता व्हरेत पांय ताचे तापले, मोचे दिले आपले कोर्डेल्च्या विगारान.

५.१३ साडो भर्ताना वोवियो

आदीं होकलेचो माटोव म्हणोन एक आसतालो. रेस्पेर जावन होरेत आनी होकाल होकलेच्या माटवाक वेतालीं. होरेताच्या पाडतिच्यो स्त्रीयो होरेताच्या माटवांत आयल्या उपरांत थैंसर साडो भर्चें काऱ्यें चलवन वर्तात. होरेताच्या माटवांत साडो भर्न बेंडा व्हाजपाचेर तो होकलेच्या माटवाक व्हर्चें आसल्लें आनी थैं थावन होरेत आनी होकाल साड्या सांगाता वोराण घेवन नोवऱ्याच्या माटवाक येतालीं. साडो रस्माच्या लेसांत बांधून, भांगार, कळे–अबोलीं सांगाता चिंचे फुलां मांडून दवर्न होरेताच्या कुटमाचे मुखार हाडतात.

453) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ತಾ ವ್ಹರೆತ್, ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ಕರ್ತಾ, ಪಯ್ಲೆಂ ಬೆಸಾಂವ್ ಮಾಗ್ತಾ ದೆವಾಬಾಪಾಲಾಗಿಂ.

454) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ತಯಾರ್ ಜಾಲಾ ವ್ಹರೆತ್, ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ವ್ಹೆತಾ, ದುಸ್ರೆಂ ಬೆಸಾಂವ್ ಮಾಗ್ತಾ ವ್ಹರೆತ್ ದೆವಾಪುತ್ರಾಲಾಗಿಂ.

455) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ತಯಾರ್ ಜಾಲಾ ವ್ಹರೆತ್, ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ವ್ಹೆತಾ, ತಿಸ್ರೆಂ ಬೆಸಾಂವ್ ಮಾಗ್ತಾ ವ್ಹರೆತ್ ಸ್ಪಿರಿತ್ ಸಾಂತಾಲಾಗಿಂ.

456) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ತಯಾರ್ ಜಾಲಾ ವ್ಹರೆತ್, ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ವ್ಹೆತಾ, ಚವ್ತೆಂ ಬೆಸಾಂವ್ ಮಾಗ್ತಾ ವ್ಹರೆತ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಬಾಪಯ್‌ಲಾಗಿಂ.

457) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ತಯಾರ್ ಜಾಲಾ ವ್ಹರೆತ್, ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ವ್ಹೆತಾ, ಪಾಚ್ವೆಂ ಬೆಸಾಂವ್ ಮಾಗ್ತಾ ವ್ಹರೆತ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಆವಯ್‌ಲಾಗಿಂ.

458) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ತಯಾರ್ ಜಾಲಾ ವ್ಹರೆತ್, ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ವ್ಹೆತಾ, ಸವೆಂ ಬೆಸಾಂವ್ ಮಾಗ್ತಾ ವ್ಹರೆತ್ ಸಮೇಸ್ತ್ ವರ್ಜಿಲಾಗಿಂ.

459) ಮೊಲ್ ದಿಲಾಂ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾನ್ ಲುಗ್ಟಾಚ್ಯಾ ಪೆಸಾಕ್, ರೆಸ್ಪೆರಾಚ್ಯಾ ಭೆಸಾಕ್ ಹೊಕಾಲ್ ಆಯ್ತಿ ಜಾಲ್ಯಾ.

460) ಮೋಲ್ ದಿಲಾಂ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾನ್ ಗರ್ಸಾಳಿಂ ಖಜ್ಯಾನ್ಯಾಂಕ್, ವ್ಹಕಾಲ್ ಆಯ್ತಿ ಜಾಲ್ಯಾ ರೆಸ್ಪೆರಾಚ್ಯಾ ಭೆಸಾಕ್.

461) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ತಾ ವ್ಹರೆತ್ ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ವೆತಾ, ಚಿಂತುನ್ ಕಂಗಾಲ್ ಜಾತಾ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.

462) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ವೆತಾ ವ್ಹರೆತ್ ಸಾಂಗಾತಾಕ್ ಕೊಣ್, ಸಾಂತಿಸ್ಸಿಮಾ ತ್ರಿಂದಾದಿಚೊ ದುಸ್ರೊ ಜಣ್.

463) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ವೆತಾ ವ್ಹರೆತ್ ಮತಿಂತ್ ಧರ್ನ್ ತೆಸಾಂವ್, ದೀಗೆ ಮಾಯೆ ಬೆಸಾಂವ್ ಸಾಯ್ಬಿಣಿ ಕೊಸೆಸಾಂವ್.

464) ಮೊಂತಿ ಸಾಯ್ಬಿಣಿಚ್ಯಾ ಫೆಸ್ತಾಕ್ ದೊಗಾಂಯ್ ಇರ್ಮಾಂವ್, ಬಿಸ್ಪ್ ಸಾಯ್ಬಾಚೊ ಶಿರ್ಮಾಂವ್ ತಾಂಚ್ಯಾ ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್.

465) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ವೆತಾ ವ್ಹರೆತ್ ಬೆಂಡಾ ಆನಿ ತೊಂಬೊರಾನ್, ಪಾಟಂ ಯೆತಾನಾ ಯೇ ವ್ಹಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಸಾಂಗಾತಾನ್.

466) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ವೆತಾ ವ್ಹರೆತಾ ದಸ್ತುರೆಚ್ಯಾ ದರ್ಬಾರಾನ್, ಪಾಟಂ ಯೆತಾನಾ ಯೇ ಕಸ್ತುರೆಚ್ಯಾ ಪರ್ಮಳಾನ್.

467) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ವೆತಾ ವ್ಹರೆತ್ ಚಲೊಂಕ್ ನೊಜೊ ಮ್ಹಣ್ತಾ ಪಾಯಾಂನಿ, ಮಾಪ್ಯಾ ರಾಯಾಂನಿ ಘಾಲ್ಕಿ ಹಾಡಯಿಲಿ.

468) ರೆಸ್ಪೆರಾಚೊ ಭೆಸ್ ಬಾಂದ್ಲಾ ಎಕ್ಯೆ ದೊರಿಯೆ, ಬೆಸಾಂವ್ ದೀಗೆ ಮಾಯೆ ಸರ್ಗಿಂಚೆ ವಿರ್ಜಾ ಮರ್ಯೆ.

469) ಭಾಂಗಾರಾಚೆಂ ಸುರಿಯೆಕ್ ರುಪ್ಯಾಚೆಂ ಥೊರುಂ, ರೆಸ್ಪೆರ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ವಿಗಾರಾಕ್ ದೇವ್ ಬರೆಂ ಕರುಂ.

470) ಸಾಂತಾಕ್ರೂಜ್ ಕೊವೆಂತಾಂತ್ ಧಾ ಬಾರಾ ಮಾದ್ರಿ, ತೇಗ್ ಜಣ್ ಪಾದ್ರಿ ತುಜ್ಯಾ ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್.

471) ಪಾಲ್ಕೆರ್ ಬಸ್ಲೆಲ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾ ಪಾಟಂ ಪಳೊವ್ನ್ ಚೊಯ್, ಮಿವ್ಹ್ಲೊ ದೀತ್ ಬೊಯ್ ತುಜ್ಯೆ ಪಾಲ್ಕೆಕ್.

472) ವ್ಹರೆತಾ ಬಾಬಾ ದೊಡ್ತೆ ಕೆಲ್ಯಾತ್ ಫೊಡೆ, ಬಾರಾ ಕಾಣ್ಯೆ, ಧೆಡೆ ತುಜ್ಯಾ ಪ್ರಾಯೆಚೆ.

473) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ವೆತಾ ವ್ಹರೆತ್ ತಾಳು ತಾಚೆ ತಾಪ್ಲಿ, ಸತ್ರಿ ದಿಲಿ ಆಪ್ಲಿ ರುಜಾಯ್ ವಿಗಾರಾನ್.

474) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ವೆತಾ ವ್ಹರೆತ್ ಪಾಂಯ್ ತಾಚೆ ತಾಪ್ಲೆ, ಮೊಚೆ ದಿಲೆ ಆಪ್ಲೆ ಕೊರ್ಡೆಲ್ಯಾಚ್ಯಾ ವಿಗಾರಾನ್.

5.13 ಸಾಡೊ ಭರ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ಆದಿಂ ಹೊಕ್ಲೆಚೊ ಮಾಟೊವ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಏಕ್ ಆಸ್ತಾಲೊ. ರೆಸ್ಪೆರ್ ಜಾವ್ನ್ ಹೊರೆತ್ ಆನಿ ಹೊಕಾಲ್ ಹೊಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಕ್ ವೆತಾಲಿಂ. ಹೊರೆತಾಚ್ಯಾ ಪಾಡ್ತಿಚ್ಯೊ ಸ್ತ್ರೀಯೊ ಹೊರೆತಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾ, ಉಪ್ರಾಂತ್ ಥೈಂಸರ್ ಸಾಡೊ ಭರ್ಚೆಂ ಕಾರ್ಯೆಂ ಚಲವ್ನ್ ವರ್ಸಾತ್. ಹೊರೆತಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಸಾಡೊ ಭರ್ನ್ ಜೇಂಡಾ ವ್ಹಾಜ್ಪಾಚೆರ್ ತೊ ಹೊಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಕ್ ವ್ಹರ್ಚೆಂ ಆಸ್ಲೆಂ ಆನಿ ಥೈಂ ಥಾವ್ನ್ ಹೊರೆತ್ ಆನಿ ಹೊಕಾಲ್ ಸಾಡ್ಯಾ ಸಾಂಗಾತಾ ವೊರಾಣ್ ಘೆವ್ನ್ ನೊವ್ರಾ್ಯಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಕ್ ಯೆತಾಲಿಂ. ಸಾಡೊ ರಸ್ಪಾಚ್ಯಾ ಲೇಸಾಂತ್ ಬಾಂಧುನ್, ಭಾಂಗಾರ್, ಕಳೆ-ಆಬೊಲಿಂ ಸಾಂಗಾತಾ ಚಿಂಚೆ ಫುಲಾಂ ಮಾಂಡುನ್ ದವರ್ನ್ ಹೊರೆತಾಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಚಿಂ ಮುಖಾರ್ ಹಾಡ್ತಾತ್.

पूण आतां होकल या होरेत काजाराच्या सालाक वेतात जाल्ल्यान, सकाळीं रेस्पेराक भायर सर्तानांच साडो भर्न इगर्जेक व्हर्तात. आनी लग्ना सालांत होकलेक साड्याक उटयताना साडो मुकार हाडतात. ह्या वेळार म्हणच्यो वोवियो आश्यो आसात.

४७५) देवाबापा देवापुत्रा देवा पवित्र आत्म्या, कुर्पेच्या दिसा येज्मान साडो भर्ता.
४७६) साडो हाडून दवरिला बोशिये, जेजुचे खुशिये येज्मान साडो भर्ता.
४७७) साडो हाडून दवरिला ह्या बांकार, बेसांव दी ताका सर्गिंच्या देवा बापा.
४७८) साडोच हाडून दवरिला मणिये, बेसांव दी मऱ्ये सर्गिंच्या विर्जा माये.
४७९) साडोच हाडला कोणाक सांगोन, रजा मागोन आमचा जेजुलागीं.
४८०) दोसीं आसीं कदेलां मधें बसला राय, साडो बांदुंक येज्मानीक रजा जाय.
४८१) रायांगेली चली माटवांतल्यान गेली, साडो भरुंक येज्मानीक पर्वणगी दिली.
४८२) साडोच हाडन दवरला ताटांत, येज्मान साडो भर्ता मधें माटवांत.
४८३) सोनारान केल्लें भांगार दवरलां ताटांत, साडो भर्ताना येज्मान सोभता माटवांत.
४८४) साड्या संगीं दवरल्ली दांतोणी चिंचे फुलां, होकलेच्या मात्याक सोभवंक व्हर्न आयतीं कऱ्यां.
४८५) साड्याच्या आंगार भांगाराचीं फुलां, येज्मानिच्या घरीं आज कीर्ण फांकलां.
४८६) साड्याचे घडियेर जरिचीं ल्हान व्हड फुलां, ह्याच साडियेन येज्मानीन होकलेक सोभवंक चिंतलां.
४८७) साडो भर्चे येज्मानी संतोसान भर, नवे सुनेक घेवन तुजें घर भर.
४८८) साडो सुंगारिला फुला भांगारान, होकलेच्या माटवीं पावया बेंडा तोंबोरान.
४८९) साडो दवरला बांयचा बांधार, कोरोलेच्या खांदार साडो माटवीं पाया.
४९०) फुला भांगारान साडो नेटयला, व्हडा दबाजान होकलेच्या माटवाक धाडून दिया.
४९१) फुलां हाडुंक गेल्लो येज्मानी पेंटेंत उरलो, घर्च्या फुलांनी नंडांनी साडो भरलो.
४९२) व्हरेताबाबा व्हड तुजो वाडो, माटवीं भर साडो फुलां भांगारान.
४९३) व्हरेतान जोडला आज लग्नाचो भेस, रस्माचो लेस ह्या साड्या वयर.
४९४) येज्मान साडो सोडयता पळेया तुमी व्होवळ्यो, गुलोबी घडियो माटवीं पर्मळायल्यो.
४९५) येज्मानी बाये गळ्यांत तुज्या कोंत, लागीं हाड पोंत त्या लेसाचें.
४९६) आमच्या गोट्यांत कोबल्ये गायचो पाडो, रजा मागोन येज्मानी बांद साडो.
४९७) रस्माच्या साड्याक भांगाराचो पालंव, सगळो वाडो गाजंव होकले व्हडवीक.
४९८) रस्माचो साडो जरी फुलांनी सोभता, सोभागेच्या होकलेक आज न्हेसवंक आसा.
४९९) रशीमाच्या साड्याक देग जरिची, साडो भर्ताना उरबा चडली वोवळ्यांची.
५००) ह्या घरा काजार धुवेकगी पुताक, कोरोली येता एका नव्या सुताक.
५०१) ह्यावी साड्यार कंरबाळोगी पात, ह्या साड्याचो मांत सगळ्या माटवांत.
५०२) कोड्याळच्ये पेंटेंत विकुंक घाल्या सुंट, अर्नून घाल गांट त्या लेसाची.
५०३) त्यावी भटकळगाराची आमकां नातली वळक, दोळ्यांक आयलो काळोक साडो मोलायताना.
५०४) साडो भर्चे येज्मानी संतोसान भर, नव्या सुनेक घेवन घर भर.

ಪುಣ್ ಆತಾಂ ಹೊಕಲ್ ಯಾ ಹೊರೆತ್ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಸಾಲಾಕ್ ವೆತಾತ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾನ್, ಕಾಳಿಂ ರೆಸ್ತೆರಾಕ್ ಭಾಯ್ರ್, ಸರ್ತಾನಾಂಚ್ ಸಾಡೊ ಭರ್ನ್ ಇಗರ್ಜೆಕ್ ವ್ಹರ್ತಾತ್. ಆನಿ ಲಗ್ನಾ ಸಾಲಾಂತ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಸಾಡ್ಯಾಕ್ ಉಟಯ್ತಾನಾ ಸಾಡೊ ಮುಕಾರ್ ಹಾಡ್ತಾತ್. ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಆಶ್ಯೊ ಆಸಾತ್.

475) ದೆವಾಬಾಪಾ ದೆವಾಪುತ್ರಾ ದೆವಾ ಪವಿತ್ರ್ ಆತ್ಮ್ಯಾ, ಕುರ್ಪೆಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಸಾಡೊ ಭರ್ತಾ.

476) ಸಾಡೊ ಹಾಡುನ್ ದವರಿಲಾ ಬೊಶಿಯೆ, ಜೆಜುಚೆ ಖುಶಿಯೆ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಸಾಡೊ ಭರ್ತಾ.

477) ಸಾಡೊ ಹಾಡುನ್ ದವರಿಲಾ ಹ್ಯಾ ಬಾಂಕಾರ್, ಬೆಸಾಂವ್ ದೀ ತಾಕಾ ಸರ್ಗಿಂಚ್ಯಾ ದೆವಾ ಬಾಪಾ.

478) ಸಾಡೊಚ್ ಹಾಡುನ್ ದವರಿಲಾ ಮಣಿಯೆ, ಬೆಸಾಂವ್ ದೀ ಮರ್ಯೆ ಸರ್ಗಿಂಚ್ಯಾ ವಿರ್ಜಾ ಮಾಯೆ.

479) ಸಾಡೊಚ್ ಹಾಡ್ಲಾ ಕೊಣಾಕ್ ಸಾಂಗೊನ್, ರಜಾ ಮಾಗೊನ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಜೆಜುಲಾಗಿಂ.

480) ದೊಸಿಂ ಆಸಿಂ ಕದೆಲಾಂ ಮಧೆಂ ಬಸ್ಲ್ಲಾ ರಾಯ್, ಸಾಡೊ ಬಾಂದುಂಕ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿಕ್ ರಜಾ ಜಾಯ್.

481) ರಾಯಾಂಗೆಲಿ ಚಲಿ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ಗೆಲಿ, ಸಾಡೊ ಭರುಂಕ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿಕ್ ಪರ್ವಣ್ಗಿ ದಿಲಿ.

482) ಸಾಡೊಚ್ ಹಾಡ್ನ್ ದವರ್ಲಾ ತಾಟಾಂತ್, ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಸಾಡೊ ಭರ್ತಾ ಮಧೆಂ ಮಾಟ್ವಾಂತ್.

483) ಸೊನಾರಾನ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ ಭಾಂಗಾರ್ ದವರ್ಲಾಂ ತಾಟಾಂತ್, ಸಾಡೊ ಭರ್ತಾನಾ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಸೊಭ್ತಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್.

484) ಸಾಡ್ಯಾ ಸಂಗಿಂ ದವರ್‌ಲ್ಲಿ ದಾಂತೊಣಿ ಚೆಂಚೆ ಫುಲಾಂ, ಹೊಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾಕ್ ಸೊಭಂವ್ಕ್ ವ್ಹರ್ನ್ ಆಯ್ತಿಂ ಕರ್ಯಾಂ.

485) ಸಾಡ್ಯಾಚ್ಯಾ ಆಂಗಾರ್ ಭಾಂಗಾರಾಚೆಂ ಫುಲಾಂ, ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಘರಿಂ ಆಜ್ ಕೀರ್ತ್ ಫಾಂಕ್ಲ್ಲಾಂ.

486) ಸಾಡ್ಯಾಚೆ ಘಡಿಯೆರ್ ಜರಿಚೆಂ ಲ್ಹಾನ್ ವ್ಹಡ್ ಫುಲಾಂ, ಹ್ಯಾಚ್ ಸಾಡಿಯೆನ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಸೊಭಂವ್ಕ್ ಚಿಂತ್ಲಾಂ.

487) ಸಾಡೊ ಭರ್ಚೆ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಸಂತೊಸಾನ್ ಭರ್, ನವೆ ಸುನೆಕ್ ಘೆವ್ನ್ ತುಜೆಂ ಘರ್ ಭರ್.

488) ಸಾಡೊ ಸುಂಗಾರಿಲಾ ಫುಲಾ ಭಾಂಗಾರಾನ್, ಹೊಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಂ ಪಾವಯಾ ಬೆಂಡಾ ತೊಂಬೊರಾನ್.

489) ಸಾಡೊ ದವರ್ಲಾ ಬಾಂಯ್ಚ್ಯಾ ಬಾಂಧಾರ್, ಕೊರೊಲೆಚ್ಯಾ ಖಾಂದಾರ್ ಸಾಡೊ ಮಾಟ್ವಂ ಪಾಯಾ.

490) ಫುಲಾ ಭಾಂಗಾರಾನ್ ಸಾಡೊ ನೆಟಯ್ಲಾ, ವ್ಹಡಾ ದಬಾಜಾನ್ ಹೊಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಕ್ ಧಾಡುನ್ ದಿಯಾ.

491) ಫುಲಾಂ ಹಾಡುಂಕ್ ಗೆಲ್ಲೊ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಪೆಂಟೆಂತ್ ಉರ್ಲೊ, ಘರ್ಚ್ಯಾ ಫುಲಾಂನಿ ನಂಡಾಂನಿ ಸಾಡೊ ಭರ್ಲೊ.

492) ವ್ಹರೆತಾಬಾಬಾ ವ್ಹಡ್ ತುಜೊ ವಾಡೊ, ಮಾಟ್ವಂ ಭರ್ ಸಾಡೊ ಫುಲಾಂ ಭಾಂಗಾರಾನ್.

493) ವ್ಹರೆತಾನ್ ಜೊಡ್ಲಾ ಆಜ್ ಲಗ್ನಾಚೊ ಭೆಸ್, ರಸ್ಮಾಚೊ ಲೇಸ್ ಹ್ಯಾ ಸಾಡ್ಯಾ ವಯ್ರ್.

494) ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಸಾಡೊ ಸೊಡಯ್ತಾ ಪಳೆಯಾ ತುಮಿ ವ್ಹೊವ್ಯ್ಲ್ಯಾ, ಗುಲೊಬಿ ಘಡಿಯೊ ಮಾಟ್ವಂ ಪರ್ಮಳಾಯ್ಲ್ಯಾ.

495) ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಬಾಯೆ ಗಳ್ಯಾಂತ್ ತುಜ್ಯಾ ಕೊಂತ್, ಲಾಗಿಂ ಹಾಡ್ ಪ್ರೊಂತ್ ತ್ಯಾ ಲೆಸಾಚೆಂ.

496) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಗೊಟ್ಯಾಂತ್ ಕೊಪ್ಲ್ಯಾ ಗಾಯ್ಲೊ ಪಾಡೊ, ರಜಾ ಮಾಗೊನ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಬಾಂದ್ ಸಾಡೊ.

497) ರಸ್ಮಾಚ್ಯಾ ಸಾಡ್ಯಾಕ್ ಭಾಂಗಾರಾಚೊ ಪಾಲಂವ್, ಸಗ್ಳೊ ವಾಡೊ ಗಾಜಂವ್ ಹೊಕ್ಲೆ ವ್ಹಡ್ವಿಕ್.

498) ರಸ್ಮಾಚೊ ಸಾಡೊ ಜರಿ ಫುಲಾಂನಿ ಸೊಭ್ತಾ, ಸೊಭಾಗೆಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಆಜ್ ನ್ಹೆಸಂವ್ಕ್ ಆಸಾ.

499) ರತೀಮಾಚ್ಯಾ ಸಾಡ್ಯಾಕ್ ದೇಗ್ ಜರಿಚಿ, ಸಾಡೊ ಭರ್ತಾನಾ ಉಬ್ಲಾ ಚಡ್ಲಿ ವ್ಹೊವ್ಯಾಂಚಿ.

500) ಹ್ಯಾ ಘರಾ ಕಾಜಾರ್ ಧುವೆಕ್‌ಗಿ ಪುತಾಕ್, ಕೊರೊಲಿ ಯೆತಾ ಎಕಾ ನವ್ಯಾ ಸುತಾಕ್.

501) ಹ್ಯಾವಿ ಸಾಡ್ಯಾರ್ ಕಂಬ್ಳಾಳೊಗೀ ಪಾತ್, ಹ್ಯಾ ಸಾಡ್ಯಾಚೊ ಮಾಂತ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್.

502) ಕೊಡ್ಯಾಳ್ಶ್ಯಾ ಪೆಂಟೆಂತ್ ವಿಕುಂಕ್ ಫಾಲ್ಯಾ ಸುಂಟ್, ಅರ್ನುನ್ ಫಾಲ್ ಗಾಂಟ್ ತ್ಯಾ ಲೆಸಾಚಿ.

503) ತ್ಯಾವಿ ಭಟ್ಕಳ್ಯಾರಾಚಿ ಆಮ್ಕಾಂ ನಾತ್ಲಿ ವಳಕ್, ದೊಳ್ಯಾಂಕ್ ಆಯ್ಲೊ ಕಾಳೊಕ್ ಸಾಡೊ ಮೊಲಾಯ್ತಾನಾ.

504) ಸಾಡೊ ಭರ್ಚೆ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಸಂತೊಸಾನ್ ಭರ್, ನವ್ಯಾ ಸುನೆಕ್ ಘೆವ್ನ್ ಘರ್ ಭರ್.

५.१४ वोर भितर घेताना वोवियो

होरेताच्या माटवांत साडो भर्न संभ्रमान बेंडा व्हाजपार तो साडो होकलेच्य माटवाक हाडचो आसल्लो. थंय थावन साड्या बराबर होरेत आनी होकले सांगात वोराण बेंडा व्हाजपान परत होरेताच्या माटवाक येतालें. वोराण भितर घेताना वोविय आश्यो आसात.

५०५) भायल्यान आयलो व्होर आनी आंगणांत नाचतात मोर, बेसांव दीवंक येतीत नोवयी कोर.
५०६) भायल्यान आयलो व्होर आनी येज्मान जाल्या खुशी, मुकार धाडल्या बोशि चांप्या दुंपेलिची.
५०७) भायल्यान आयलो व्होर आनी दावोन आयलीं बाळकां, सोभायेचीं साळक आंजांनी उडयलीं.
५०८) मेज आल्मार घडन मेजार दवरल्यांत कोंतां, रेस्पेर जावन आयल्यांत दोगांय भागेवोंतां
५०९) येज्मानिच्या हुंबरार गुलोब झळजळ्ळ्यात, वीज दिवे पर्जळ्ळ्यात तुमचा रेस्पेराक.
५१०) रेस्पेर जावन पियेंत घालो हात, बेसांवां दीगे सात संतानी पिल्यादाक.
५११) दावे कुशिचो वांजेल उज्वे कुशीक हाडलो, साक्रामेंत जोडलो दोगांय आंकवाऱ्यांनी.
५१२) उबारिली माडी आनी पिंतारिली संतान, रुजार माय येता मांतान वोराणाक बेसांव दीवंक.
५१३) सर्वय वसतूर न्हेसोन हसती वयल्यान चडलो, उज्वाड पडलो सगळ्या बेंदुरांत.
५१४) आमच्या घरा मुकल्यान गिरबोजेंचो मेळ, इतलो कितें वेळ होरेता होकलेक हाडुंक.
५१५) आसल्लें भांगार घालें तिणें आडव, कित्याक होरेता तडव वोराण भितर सरुंक.
५१६) व्होर येंवचे वाटेर नातलो तुमकां कडव, कसो जालो तडव वोराण भितर रिगोंक.
५१७) व्होर येंवची वाट एकदम चडोव, तशें जालो तडव वोराण भितर रिगोंक.
५१८) व्होर पावला आर्धार आनी घांटी जाल्यो चबकार, व्हड मागा उपकार व्होराण भितर सरोंक.
५१९) पयस थावन आयल्यांव आनी पांय आमचे वोळ्ळे, आतां सोडया कोवळे तुमच्या मांदऱ्यांचे.
५२०) आमच्या त्या उत्वार गोडाचे पेळे, तयार केल्यात दाळे तुमकां कदेलांचें.
५२१) वोराण हाडून येताना उडल्यांव आमी दोरो, तयार करा सोरो आतां व्होर सुद्रावंक.
५२२) पयलो खजनो सोडया आनी दुस्रो खजनो भरया, लावदात कंतार कर्न व्होराण भितर हाडया.

५.१५ साडो न्हेसयताना वोवियो

होरेताच्या माटवांत वोराण भितर घेतल्या उपरांतलें महत्वाचें काऱ्यें जावनासा होकलेक साडो न्हेसंवचें. साडो न्हेसवंक होकलेक आपवन व्हर्ताना होकलेगेल्या स्त्रीयांकयी साडो न्हेसंवच्याखातीर आमंत्रीत कर्तात. आदीं माटवांतच स्त्रीयो होकलेच्या भोंवारी वेडो घालन होकलेक साडो नेसयतालीं. ह्या संदर्भार दादल्यांक अवकास नातल्लो. आयच्या काळार साडो बंध कुडांत नेसयतात आनी थोड्यो स्त्रीयो मात्र थंयसर लग्ती जाल्ल्यो वोवियो म्हणतात. आदल्या काळार साडो न्हेसयताना दोनयी पाडतीं मधें वोवियांचो स्पर्धो चल्तालो.

5.14 ವ್ಹೊರ್ ಭಿತರ್ ಘೆತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ಹೊರೆತಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಸಾಡೊ ಭರ್ನ್ ಸಂಭ್ರಮಾನ್ ಬೇಂಡಾ ವ್ಹಾಜ್ಯಾರ್ ತೊ ಸಾಡೊ ಹೊರ್ಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾರ್ ಹಾಡ್ತೊ ಆಸ್ಲ್ಲೊ. ಥಂಯ್ ಥಾವ್ನ್ ಸಾಡ್ಯಾ ಬರಾಬರ್ ಹೊರೆತ್ ಆನಿ ಹೊರ್ಕ್ಲೆ ಸಾಂಗಾತಾ, ವ್ಹೊರಾಣ್ ಬೇಂಡಾ ವ್ಹಾಜ್ಯಾನ್ ಪರತ್ ಹೊರೆತಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾರ್ ಯೆತಾಲೆಂ. ವ್ಹೊರಾಣ್ ಭಿತರ್ ಘೆತಾನಾ ವೊಪಿಯೊ ಅಶ್ಯೊ ಆಸಾತ್.

505) ಭಾಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಯ್ಲೊ ವ್ಹೊರ್ ಆನಿ ಆಂಗ್ಣಾಂತ್ ನಾಚ್ತಾತ್ ಮೊರ್, ಬೆಸಾಂವ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಯೆತಿತ್ ನೋವ್‌ಯೀ ಕೊರ್.
506) ಭಾಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಯ್ಲೊ ವ್ಹೊರ್ ಆನಿ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಖುಶಿ, ಮುಕಾರ್ ಧಾಡ್ಲ್ಯಾ ಜೊಶಿ ಚಾಂಪ್ಯಾ ದುಂಪೆಲಿಚಿ.
507) ಭಾಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಯ್ಲೊ ವ್ಹೊರ್ ಆನಿ ದಾವ್ರೊನ್ ಆಯ್ಲಿಂ ಬಾಳ್ಕಾಂ, ಸೊಭಾಯೆಚೆಂ ಸಾಳ್ಕಾಂ ಆಂಜಾಂನಿ ಉಡಯ್ಲಿಂ.
508) ಮೇಜ್ ಆಲ್ತಾರ್ ಘಡ್ನ್ ಮೆಜಾರ್ ದವರ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಕೊಂತಾಂ, ರೆಸ್ಪೆರ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾಂತ್ ದೊಗಾಂಯ್ ಭಾಗೆವ್ರೊಂತಾಂ.
509) ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಹುಂಬ್ರಾರ್ ಗುಲೊಬ್ ಝುಳ್ಳಳ್ಯಾತ್, ವಿಜ್ ದಿವೆ ಪರ್ಜಳ್ಳ್ಯಾತ್ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್.
510) ರೆಸ್ಪೆರ್ ಜಾವ್ನ್ ಪಿಯೆಂತ್ ಘಾಲೊ ಹಾತ್, ಬೆಸಾಂವಾಂ ದೀಗೆ ಸಾತ್ ಸಂತಾನಿ ಪಿಲ್ಯಾದಾಕ್.
511) ದಾವೆ ಕುಶಿಚೊ ವಾಂಜೆಲ್ ಉಜ್ವೆ ಕುಶಿಕ್ ಹಾಡ್ಲೊ, ಸಾಕ್ರಾಮೆಂತ್ ಜೊಡ್ಲೊ ದೊಗಾಂಯ್ ಆಂಕ್ವಾರ್ಯಾಂನಿ.
512) ಉಬಾರಿಲಿ ಮಾಡಿ ಆನಿ ಪಿಂತಾರಿಲಿ ಸಂತಾನ್, ರುಜಾರ್ ಮಾಯ್ ಯೆತಾ ಮಾಂತಾನ್ ವ್ಹೊರಾಣಾಕ್ ಬೆಸಾಂವ್ ದೀಂವ್ಕ್.
513) ಸರ್ವಯ್ ವಸ್ತುರ್ ನ್ಹೆಸೂನ್ ಹಸ್ತಿ ವಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಚಡ್ಲೊ, ಉಜ್ವಾಡ್ ಪಡ್ಲೊ ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಬೆಂದುರಾಂತ್.
514) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾನ್ ಗಿರ್ಜೆಚೆಂಚೊ ಮೇಳ್, ಇತ್ಲೊ ಕಿತೆಂ ವೇಳ್ ಹೊರೆತಾ ಹೊರ್ಕ್ಲೆಕ್ ಹಾಡುಂಕ್.
515) ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ಭಾಂಗಾರ್ ಘಾಲೆಂ ತಿಸೆಂ ಆಡವ್, ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಹೊರೆತಾ ತಡವ್ ವ್ಹೊರಾಣ್ ಭಿತರ್ ಸರುಂಕ್.
516) ವ್ಹೊರ್ ಯೆಂವ್ಚೆ ವಾಟೆರ್ ನಾತ್ಲೊ ತುಮ್ಕಾಂ ಕಡವ್, ಕಸೊ ಜಾಲೊ ತಡವ್ ವ್ಹೊರಾಣ್ ಭಿತರ್ ರಿಗೊಂಕ್.
517) ವ್ಹೊರ್ ಯೆಂವ್ಚಿ ವಾಟ್ ಎಕ್‌ದಮ್ ಚಡೊವ್, ತಶೆಂ ಜಾಲೊ ತಡವ್ ವ್ಹೊರಾಣ್ ಭಿತರ್ ರಿಗೊಂಕ್.
518) ವ್ಹೊರ್ ಪಾವ್ಲಾ ಆಧ್ಧಾರ್ ಆನಿ ಘಾಂಟಿ ಜಾಲ್ಯೊ ಚಬ್ಕಾರ್, ವ್ಹಡ್ ಮಾಗಾ ಉಪ್ಕಾರ್ ವ್ಹೊರಾಣ್ ಭಿತರ್ ಸರೊಂಕ್.
519) ಪಯ್ಸ್ ಥಾವ್ನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾಂವ್ ಆನಿ ಪಾಂಯ್ ಆಮ್ಚೆ ವ್ಹೊಳ್ಳೆ, ಆತಾಂ ಸೊಡಯಾ ಕೊವ್ಳೆ ತುಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಂದ್ರ್ಯಾಂಚೆ.
520) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ತ್ಯಾ ಉತ್ತ್ವಾರ್ ಗೊಡಾಚೆ ಪೆಳೆ, ತಯಾರ್ ಕೆಲ್ಯಾತ್ ದಾಳೆ ತುಮ್ಕಾಂ ಕದೆಲಾಂಚೆಂ.
521) ವ್ಹೊರಾಣ್ ಹಾಡುನ್ ಯೆತಾನಾ ಉಬ್ಲ್ಯಾಂವ್ ಆಮಿ ದೊರೊ, ತಯಾರ್ ಕರಾ ಸೊರೊ ಆತಾಂ ವ್ಹೊರ್ ಸುದ್ರಾಂವ್ಕ್.
522) ಪಯ್ಲೊ ಖಜ್ಲೊ ಸೊಡ್‌ಯಾ ಆನಿ ದುಸ್ರೊ ಖಜ್ಲೊ ಭರ್‌ಯಾ, ಲಾವ್ದಾತ್ ಕಂತಾರ್ ಕರ್ನ್ ವ್ಹೊರಾಣ್ ಭಿತರ್ ಹಾಡ್‌ಯಾ.

5.15 ಸಾಡೊ ನ್ಹೆಸಯ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ಹೊರೆತಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ವ್ಹೊರಾಣ್ ಭಿತರ್ ಘೆತ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ಲೆಂ ಮಹತ್ವಾಚೆಂ ಕಾರ್ಯೆಂ ಜಾವ್ನಾಸಾ ಹೊರ್ಕ್ಲೆರ್ ಸಾಡೊ ನ್ಹೆಸಂವ್ಚೆಂ. ಸಾಡೊ ನ್ಹೆಸಂವ್ಕ್ ಹೊರ್ಕ್ಲೆರ್ ಆಪವ್ನ್ ವ್ಹರ್ತಾನಾ ಹೊರ್ಕ್ಲೆಗೆಲ್ಯಾ ಸ್ತ್ರೀಯಾಂಕ್‌ಯೀ ಸಾಡೊ ನ್ಹೆಸಂವ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಆಮಂತ್ರಿತ್ ಕರ್ತಾತ್. ಆದಿಂ ಮಾಟ್ವಾಂತ್‌ಚ್ ಸ್ತ್ರೀಯೊ ಹೊರ್ಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಘೊಂವಾರಿ ವಸ್ತೊ ಘಾಲ್ನ್ ಹೊರ್ಕ್ಲೆರ್ ಸಾಡೊ ನೆಸಯ್ತಾಲಿಂ. ಹ್ಯಾ ಸಂದರ್ಭಾರ್ ದಾದ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ಅವ್ಕಾಸ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊ. ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಸಾಡೊ ಬಂಧ್ ಕುಡಾಂತ್ ನೆಸಯ್ತಾತ್ ಆನಿ ಥೊಡ್ಯೊ ಸ್ತ್ರೀಯೊ ಮಾತ್ರ್ ಥಂಯ್ಸರ್ ಲಗ್ಗಿ ಜಾಲ್ಲ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್. ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಸಾಡೊ ನ್ಹೆಸಯ್ತಾನಾ ದೊನ್‌ಯಿ ಪಾಡ್ತಿಂ ಮಧೆಂ ವೊಪಿಯಾಂಚೊ ಸ್ಪರ್ಧೊ ಚಲ್ತಾಲೊ.

आशें वोवियांच्या माध्यमान होकलेक ह-येक थराची चत्राय, जाण्वाय, सलहा आनी काजारी जिवीत म्हळ्यार कितें म्हळ्ळें वोवियां मुखांत्र समजोणी दितात. तशेंच नवऱ्यागेल्या घराण्या विषयांत विवर्सितात.ह्या वेळार म्हणच्यो वोवियो आश्यो आसात.

५२३) भारीक शिंवोन शिवोंक घाल्या दर्ज्या, न्हेसयात भुर्ग्याक आमच्या व्होकलेक.
५२४) सूऱ्याचा उदेवाक काळोक पयस सरला, साडो न्हेसयताना माटवांत उज्वाड फांकला.
५२५) सोड सोड व्हकले आंकवारपणा नाडो, आमी हाडला साडो तुका न्हेसंवच्याक.
५२६) सोड सोड व्हकले आंकवारपणा न्हेसाण, आयच्यान जालें सासण तुका सिलवागेलें.
५२७) भांगाराच्या पेटुला रुपियाचे खण, तांतूं आसा व्हड तुजें आयापण.
५२८) भांगाराच्या तांबलेराक रुपियाचे कण, तांतूं आसा धन होकले आयापण.
५२९) पिड्डुकेचो पोड धर्ताना जड, आयापण व्हड होकले संसारांत.
५३०) बापायच्या चुकीक पुताक मेळात शिक्षा, वोवियांची भिक्षा आमी मागोन आयल्यांव.
५३१) बारा पावटीं उटलो येज्मान बारा पावटीं बसलो, साडो मोलायताना मुंडू ताचो सुटलो.
५३२) बोकडी आमची धवी, गाय आमची कोबली, साड्यार आतां सोभली आमची व्हकाल बाय.
५३३) भायर भितर वेताना होकाल चल सवकास, चत्रायेचे भावे होकले घरा आसात.
५३४) भाताच्ये राशीं कोंबियेन घाला तांतीं, विंचून हाडलां मोतीं आमच्या व्हरेतान.
५३५) भांगाराची मुदी किरंगळी बोटाक चेंचली, ही सयरीक रुचली आमकां समेसतांक.
५३६) भांगाराच्ये सुरिये रुपियाचें थोरूं, रेस्पेर केल्ल्या विगाराक देव बरें करूं.
५३७) भुर्गो गेलो इसकोलाक शिर्कावन नवें इजार, केल्या शिवाय रजार होकले निदानाका.
५३८) लांब नेसण मेट धांपात, मान राकात फाल्यां लोबांगेर.
५३९) लागशिली नणंद येत जाल्यार मिटामिर्सांगेन वाड, पयशिल्या नंडेक शेवटे रांदून वाड, तेवी पावानातल्यार व्हरेताक पागुंक धाड.
५४०) साट तिनशीं नंडो म्हणून करिनाका शीण, काशा नंडो आसचीं तुका चवगी जणी.
५४१) सकाळीं उटोन सारोण घाल्या हुंबरीं, दीषट घाल दोंग्रीं तुज्या कुळारिंक.
५४२) सकाळीं उटोन केळीक घाल गोबर, घोवागेली खबर सांगोनाका आवयगेर.
५४३) सकाळीं केल्ली पोळी सांजेर जाली शेळी, जनेलांतल्यान तिळी होकले आवय तुजी.
५४४) सकाळीं घाल्ल्या लोणच्याक सांजेर पडली कूस, पानपळयांची रूच होकले मांयक तुज्या.
५४५) सकाळिंच्या वेळा येज्मान कर्ता काफी, कसलो गुन्यांव केल्यार मांय करीत माफी.
५४६) सकाळिंच्या जेवणा आल्याची केल्या दोस, नंडांक घेवन फाल्या जेवणाक बस.
५४७) सकाळिंच्या जेवणाक कुळटाचो काट, मांयक पडलें हट तुकाच हाडिजाय म्हण.
५४८) साडोच हाडला तळ्याच्या बांधान, कोरोलेच्या खांदान साडो माटवीं पायला.
५४९) सात सतऱ्यो घेवन होरेत वेता भोंवत्त, माणीक मेळ्ळां खेळोंक आमच्या होरेताक.
५५०) सोनारा साले कुर्सात कडयला, मिनीन घडयला होकले मांवान तुज्या.
५५१) सोपाचो घालीं पानां हातांत धरलीं येणां, दुस्री साडी दीवंक जाणा होकले मांय तुजी.
५५२) दिसाक पळेवन हासली, रातीक ओपवाली, आतां पळेवन शेर्मेली होकले मांय तुजी.

ಅಶೆಂ ವೋಪಿಯಾಂಚ್ಯಾ ಮಾಧ್ಯಮಾನ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಹರ್ಯೆಕ್ ಥರಾಚಿ ಚತ್ರಾಯ್, ಜಾಗ್ರಾಯ್, ಸಲಹಾ ಆನಿ ಕಾಜಾರಿ ಜಿಪಿತ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ವೋಪಿಯಾಂ ಮುಖಾಂತ್ ಸಮ್ಜೊಣಿ ದಿತಾತ್. ತಶೆಂಚ್ ನವ್ರ್ಯಾ ಗೆಲ್ಯಾ ಘರಾಣ್ಯಾ ಪಿಷ್ಯಾಂತ್ ಪಿವರ್ಸಿತಾತ್. ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಮ್ಹಣ್ಜ್ಯೊ ವೋಪಿಯೊ ಆಶ್ಯೊ ಆಸಾತ್.

523) ಭಾರೀಕ್ ಶಿಂವ್ರೊನ್ ಶಿವ್ರೊಂಕ್ ಘಾಲ್ಯಾ ದರ್ಜ್ಯಾ, ನ್ಹೆಸಯಾತ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಕ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹೊಕ್ಲೆಕ್.
524) ಸುರ್ಯಾಚಾ ಉದೆವಾಕ್ ಕಾಳೊಕ್ ಪಯ್ಸ್ ಸರ್ಲಾ, ಸಾಡೊ ನ್ಹೆಸಯ್ತಾನಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಉಜ್ವಾಡ್ ಫಾಂಕ್ಲಾ.
525) ಸೊಡ್ ಸೊಡ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಆಂಕ್ವಾರ್‌ಪಣಾ ನಾಡೊ, ಆಮಿ ಹಾಡ್ಲ್ಲಾ ಸಾಡೊ ತುಕಾ ನ್ಹೆಸಂವ್ಚ್ಯಾಕ್.
526) ಸೊಡ್ ಸೊಡ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಆಂಕ್ವಾರ್‌ಪಣಾ ನ್ಹೆಸಾಣ್, ಆಯ್ಚ್ಯಾನ್ ಜಾಲೆಂ ಸಾಸಣ್ ತುಕಾ ಸಿಲ್ವಾಗೆಲೆಂ.
527) ಭಾಂಗಾರಾಚ್ಯಾ ಪೆಟುಲಾ ರುಪಿಯಾಚೆ ಖಣ್, ತಾಂತುಂ ಆಸಾ ವ್ಹಡ್ ತುಜೆಂ ಆಯಾಪಣ್.
528) ಭಾಂಗಾರಾಚ್ಯಾ ತಾಂಬ್ಲೆರಾಕ್ ರುಪಿಯಾಚೆ ಕಣ್, ತಾಂತುಂ ಆಸಾ ಧನ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಆಯಾಪಣ್.
529) ಪಿಡ್ದುಕೆಚೊ ಫ್ರೊಡ್ ಧರ್ತಾನಾ ಜಡ್, ಆಯಾಪಣ್ ವ್ಹಡ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಸಂಸಾರಾಂತ್.
530) ಬಾಪಾಯ್ಚ್ಯಾ ಚುಕಕ್ ಪುತಾಕ್ ಮೆಳಾತ್ ಶಿಕ್ಷಾ, ವೋವಿಯಾಂಚಿ ಭಿಕ್ಷಾ ಆಮಿ ಮಾಗೊನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾಂವ್.
531) ಬಾರಾ ಪಾವ್ಟಿಂ ಉಟ್ಲೊ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಬಾರಾ ಪಾವ್ಟಿಂ ಬಸ್ಲೊ, ಸಾಡೊ ಮೊಲಾಯ್ತಾನಾ ಮುಂಡು ತಾಚೊ ಸುಟ್ಲೊ.
532) ಜೊಕ್ತಿ ಆಮ್ಚಿ ಧವಿ, ಗಾಯ್ ಆಮ್ಚಿ ಕೊಬ್ಲಿ, ಸಾಡ್ಯಾರ್ ಆತಾಂ ಸೊಬ್ಲಿ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
533) ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ವೆತಾನಾ ಹೊಕಾಲ್ ಚಲ್ ಸವ್ಕಾಸ್, ಚತ್ರಾಯೆಚೆ ಭಾವೆ ಹೊಕ್ಲೆ ಘರಾ ಆಸಾತ್.
534) ಭಾತಾಚ್ಯೆ ರಾಶಿಂ ಕೊಂಬಿಯೆನ್ ಘಾಲಾ ತಾಂತಿಂ, ವಿಂಚುನ್ ಹಾಡ್ಲಾಂ ಮೊತಿಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾನ್.
535) ಭಾಂಗಾರಾಚಿ ಮುದಿ ಕಿರಂಗಳಿ ಬೊಟಾಕ್ ಚೆಂಚ್ಲೆ, ಹಿ ಸಯ್ರಿಕ್ ರುಚ್ಲೆ ಆಮ್ಕಾಂ ಸಮೇಸ್ತಾಂಕ್.
536) ಭಾಂಗಾರಾಚ್ಯೆ ಸುರಿಯೆ ರುಪಿಯಾಚೆಂ ಥೊರುಂ, ರೆಸ್ಪೆರ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ವಿಗಾರಾಕ್ ದೇವ್ ಬರೆಂ ಕರುಂ.
537) ಭುರ್ಗೊ ಗೆಲೊ ಇಸ್ಕೊಲಾಕ್ ಶಿರ್ಕಾವ್ನ್ ನವೆಂ ಇಜಾರ್, ಕೆಲ್ಯಾ ಶಿವಾಯ್ ರಜಾರ್ ಹೊಕ್ಲೆ ನಿದಾನಾಕಾ.
538) ಲಾಂಬ್ ನೆಸಣ್ ಮೆಟ್ ಧಾಂಪಾತ್, ಮಾನ್ ರಾಕಾತ್ ಘಾಲ್ಯಾಂ ಲೊಬಾಂಗೆರ್.
539) ಲಾಗ್ತಿಲಿ ನಣಾಂದ್ ಯೇತ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಮಿಟಾಮಿರ್ಸಾಂಗೆನ್ ವಾಡ್, ಪಯ್ಶಿಲ್ಯಾ ನಂಡೆಕ್ ಶೆವ್ಟೆ ರಾಂದುನ್ ವಾಡ್, ತೆವೀ ಪಾವಾನಾತ್ಲ್ಯಾರ್ ವ್ಹರೆತಾಕ್ ಪಾಗುಂಕ್ ಧಾಡ್.
540) ಸಾಟ್ ತಿಸ್ತಿಂ ನಂಡೊ ಮ್ಹಣುನ್ ಕರಿನಾಕಾ ಶಿಣ್, ಕಾಶಾ ನಂಡೊ ಆಸ್ಚಿಂ ತುಕಾ ಚವ್ಗಿ ಜಣಿ.
541) ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ಸಾರೊಣ್ ಘಾಲ್ಯಾ ಹುಂಬ್ರಿಂ, ದೀಷ್ಟ್ ಘಾಲ್ ದೊಂಗ್ರಿಂ ತುಜ್ಯಾ ಕುಳಾರಿಂಕ್.
542) ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ಕೆಳಿಕ್ ಘಾಲ್ ಗೊಬರ್, ಘೊವಾಗೆಲಿ ಖಬರ್ ಸಾಂಗೊನಾಕಾ ಆವಯ್‌ಗೆರ್.
543) ಸಕಾಳಿಂ ಕೆಲ್ಲಿ ಪ್ರೊಳಿ ಸಾಂಜೆರ್ ಜಾಲಿ ಶೆಳಿ, ಜನೆಲಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ತಿಳಿ ಹೊಕ್ಲೆ ಆವಯ್ ತುಜಿ.
544) ಸಕಾಳಿಂ ಘಾಲ್ಲ್ಯಾ ಲೊಣ್ಚ್ಯಾಕ್ ಸಾಂಜೆರ್ ಪಡ್ಲಿ ಕೂಸ್, ಪಾನ್ಪಳ್ಯಾಂಚಿ ರೂಚ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ಕ್ ತುಜ್ಯಾ
545) ಸಕಾಳಿಂಚ್ಯಾ ವೆಳಾ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಕರ್ತಾ ಕಾಫಿ, ಕಸ್ಲೊ ಗುನ್ಯಾಂವ್ ಕೆಲ್ಯಾರ್ ಮಾಂಯ್ ಕರಿತ್ ಮಾಫಿ.
546) ಸಕಾಳಿಂಚ್ಯಾ ಜೆವ್ಣಾ ಆಲ್ಯಾಚಿ ಕೆಲ್ಯಾ ದೊಸ್, ನಂಡಾಂಕ್ ಘೆವ್ನ್ ಘಾಲ್ಯಾ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ಬಸ್.
547) ಸಕಾಳಿಂಚ್ಯಾ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ಕುಳ್ಟಾಚೊ ಕಾಟ್, ಮಾಂಯ್ಕ್ ಪಡ್ಲೆಂ ಹಟ್ ತುಕಾಚ್ ಹಾಡಿಜಾಯ್ ಮ್ಹಣ್.
548) ಸಾಡೊಚ್ ಹಾಡ್ಲಾ ತಳ್ಯಾಚ್ಯಾ ಬಾಂಧಾನ್, ಕೊರೊಲೆಚ್ಯಾ ಖಾಂದಾನ್ ಸಾಡೊ ಮಾಟ್ವಂ ಪಾಯ್ಲಾ.
549) ಸಾತ್ ಸತ್ರ್ಯಾ ಘೆವ್ನ್ ಹೊರತ್ ವೆತಾ ಘೊವತ್, ಮಾಣಿಕ್ ಮೆಳ್ಗು ಕೆಳೊಂಕ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಕ್.
550) ಸೊನಾರಾ ಸಾಲೆ ಕುರ್ಸಾತ್ ಕಡಯ್ಲಾ, ಮಿನಿನ್ ಘಡಯ್ಲಾ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾನ್ ತುಜ್ಯಾ.
551) ಸೊಪಾಚೊ ಘಾಲಿಂ ಪಾನಾಂ ಹಾತಾಂತ್ ಧರ್ಲಿಂ ಯೆಣಾಂ, ದುಸ್ರಿ ಸಾಡಿ ದೀಂವ್ಕ್ ಜಾಣಾ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ ತುಜಿ.
552) ದಿಸಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಹಾಸ್ಲಿ, ರಾತಿಕ್ ಒಪ್ವಾಲಿ, ಆತಾಂ ಪಳೆವ್ನ್ ಶೆರ್ಮೆಲಿ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ ತುಜಿ.

५५३) दोगी तेगी जाजावो बसोन मार्‍यां उवो, आयच्यान जाल्यांव धुवो एक्ये आवयिच्यो.
५५४) नंडो आयल्यार हासोन उलवन राव, नंडावे आयल्यार कदेल मुखार वोड.
५५५) पर्न्या कांटीक नवें बांदलां पोंद, सोंपान वाडलें दोंद होकले मावांक तुज्या.
५५६) पानपोड खावन उडयिलें पीक, कळीत नातल्लें काम मांयलागीं शीक.
५५७) पानपोड खावन उडयलें जांबाळ, पांयशीं रुपय सांबाळ होकले व्हरेताक.
५५८) पांयांक लायलीं चिनेलां, वोणटीक मारलीं पायनेलां, दोत भायर वचोंक सोडलिनां होकले आवयन तुज्या.
५५९) प्रायेन ल्हान व्हरेत दाडीन वाडलो, दुडवाचे आशेक बापायन फोरीन धाडलो.
५६०) पणस कातर्न हाताक लागलें मेण, घरा ना जण होकले मांयक तुज्या.
५६१) फुडें नां भावो होकले पाटीं नां देर, देवा खातीर ताचो मोग कर.
५६२) ही साडी न्हेसोन कदेलार बस, दुस्री साडी दिली जाल्यार पानां खुंटुंक वच.
५६३) बजाल्च्या गांवांत सगळे पटेल, अर्दो वकील होकले मांव तुजो.
५६४) भितरल्या कुडांत लांप्यांव कोणाचो, बरया? मनाचो होकले मांव तुजो.
५६५) भितरल्या कुडांत पोळ्यांची कायल, वकीलाची बायल होकले मांय तुजी.
५६६) वालिच्या कदेला बिटिचे पांय, कदेलाचे राय होकले नंडावे तुजे.
५६७) मंजेश्वरच्या न्हंयत वर्साक एक पावटीं सषट, आरब्यांजचो ईषट होकले व्हरेत तुजो.
५६८) मुखार येता बोणको पाटल्यान येता कोंकणो, उत्रा फुडें देंकणो होकले मांवाक तुज्या.
५६९) मांव सोडिना जाल्यार होकले मांय सोडीत तुका, सांगल्ल्या वेळाक येवंक चुकानाका.
५७०) मांय दीत उलो होकले नंडो दितीत हिशे, फागूर मांयों पळेयतीत तुज्ये गूण कशे.
५७१) मांयक पळेवन भिये होकले मांवाक पळेवन लजे, शाभास म्हणोन जिये फाल्यां कोड्याळांत.
५७२) माडा वयलो नारल खुब्यार उरोन सुकलो, सांगात आमचो चुकलो नंडे भावजेचो.
५७३) व्हरेतारे बाबा, बोल्सांत तुज्या बादाम, साड्यार दिसता मदाम आमची व्हकाल बाय.
५७४) व्हरेताचें घर माडामाड्यांत, व्हरेतान जोडल्लो दुडू कोरोल्यां साडियेंक.
५७५) व्हडिलांनी सांगलां आमकां, आमी सांग्तांव तुका, न्याय झगडें नाका आमकां जाजावांक.
५७६) येज्मान्याच्या गोट्यांत घाटाचें जोत, सांगल्लें सत होकले मांवाक तुज्या.
५७७) येज्मान्याच्या घरा वयल्यान चडता देंवता पाल, मानान चल तुज्ये मांयच्येखाल.
५७८) येज्मानी माये पालंव वोड सार्को, जांवय मेळ्ळा तुज्ये भागे सार्को.
५७९) आबोल्याचें फूल तांबडें तांबडें दिसता, होकलेक पळेवन हासता आमचो व्हरेत बाब.
५८०) आल्तोडिच्यान म्हाका, पल्तोडिच्यान तुका, अपरूप वाटेन मेळ्ळयार उलवंक उबगानाका.
५८१) आयिल्ल्या सयर्‍यांक बसोंक मांद्री घाल्ची, तिस्री सून जांवची आमची होकाल बाय.
५८२) आमच्या हितलांत पात पुलली, सुनेक पळेवन येज्मान खुशेन भुलली.
५८३) आमच्या हितलांत गुलोब फुलोलो, व्हरेत भुललो होकलेच्या गुणांक.
५८४) आमच्या गांवांत नातल्लो वाग, घालुंक ना माग कोरोल्यांच्या साडियांक.
५८५) आमच्या घरा मुकार केंळ्ब्यान घाला घडाय, सयरीक केल्ल्या म्हाल्या उलयनाका बडाय.

553) ದೊಗಿ ತೆಗಿ ಜಾಜಾವ್ರೊ ಬಸೊನ್ ಮಾರ್ಯಾಂ ಉವ್ರೋ, ಆಯ್ಜ್ಯಾನ್ ಜಾಲ್ಯಾಂವ್ ಧುವ್ರೋ ಎಕ್ಕೆ ಆವಯಿಚ್ಯೊ.

554) ನಂಡೊ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಹಾಸೊನ್ ಉಲವ್ನ್ ರಾವ್, ನಂಡಾವೆ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಕದೆಲ್ ಮುಖಾರ್ ವ್ಹೊಡ್.

555) ಪರ್ನ್ಯಾ ಕಾಂಟಿಕ್ ನವೆಂ ಬಾಂದ್ಲ್ಯಾಂ ಪ್ರೊಂದ್, ಸೊಂಪಾನ್ ವಾಡ್ಲೆಂ ದೊಂದ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾವಾಂಕ್ ತುಜ್ಯಾ.

556) ಪಾನ್ಪೊಡ್ ಖಾವ್ನ್ ಉಡಯಿಲೆಂ ಪಿಕ್, ಕಳಿತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ಕಾಮ್ ಮಾಂಯ್‌ಲಾಗಿಂ ಶಿಕ್.

557) ಪಾನ್‌ಪೊಡ್ ಖಾವ್ನ್ ಉಡಯ್ಲೆಂ ಜಾಂಬಾಳ್, ಪಾಂಯ್ಚಿಂ ರುಪಯ್ ಸಾಂಬಾಳ್ ಹೊಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತಾಕ್.

558) ಪಾಂಯಾಂಕ್ ಲಾಯ್ಲಿಂ ಚಿನೆಲಾಂ, ವ್ರೊಣ್ಟಿಕ್ ಮಾರ್ಲಿಂ ಪಾಯ್ನೆಲಾಂ, ದೋತ್ ಭಾಯ್ರ್ ವಚೊಂಕ್ ಸೊಡ್ಲಿನಾಂ ಹೊಕ್ಲೆ ಆವಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ.

559) ಪ್ರಾಯೆನ್ ಲ್ಹಾನ್ ವ್ಹರೆತ್ ದಾಡಿನ್ ವಾಡ್ಲೊ, ದುಡ್ವಾಚೆ ಆಶೆಕ್ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ಪೊರಿನ್ ಧಾಡ್ಲೊ.

560) ಪಣಸ್ ಕಾತರ್ನ್ ಹಾತಾಕ್ ಲಾಗ್ಲೆಂ ಮೆಣ್, ಘರಾ ನಾ ಜಣ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ಕ್ ತುಜ್ಯಾ.

561) ಪುಡೆಂ ನಾಂ ಭಾವ್ರೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಪಾಟಿಂ ನಾಂ ದೇರ್, ದೆವಾ ಖಾತಿರ್ ತಾಚೊ ಮೋಗ್ ಕರ್.

562) ಹಿ ಸಾಡಿ ನ್ಹೆಸೊನ್ ಕದೆಲಾರ್ ಬಸ್, ದುಸ್ರಿ ಸಾಡಿ ದಿಲಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಪಾನಾಂ ಖುಂಟುಂಕ್ ವಚ್.

563) ಬಜಾಲ್ಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್ ಸಗ್ಳೆ ಪಟೆಲ್, ಅರ್ದೊ ವಕೀಲ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವ್ ತುಜೊ.

564) ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಂತ್ ಲಾಂವ್ಪ್ಯಾಂವ್ ಕೊಣಾಚೊ, ಬರ್ಯಾ ಮನಾಚೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವ್ ತುಜೊ.

565) ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಂತ್ ಪ್ರೊಳ್ಯಾಂಚಿ ಕಾಯ್ಲ್, ವಕೀಲಾಚಿ ಬಾಯ್ಲ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ ತುಜಿ.

566) ವಾಲಿಚ್ಯಾ ಕದೆಲಾ ಬಿಟಿಚೆ ಪಾಂಯ್, ಕದೆಲಾಚೆ ರಾಯ್ ಹೊಕ್ಲೆ ನಂಡಾವೆ ತುಜೆ.

567) ಮಂಜೇಶ್ವರ್‌ಚ್ಯಾ ನ್ಹಂಯ್ತ್ ವರ್ಸಾಕ್ ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಸಪ್ತ್, ಆರ್ಜ್ಯಾಂಚೊ ಈಷ್ಟ್ ಹೊಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತ್ ತುಜೊ.

568) ಮುಖಾರ್ ಯೆತಾ ಬೊಣ್ಕೊ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಯೆತಾ ಕೊಂಕ್ಣೊ, ಉತ್ರಾ ಪುಡೆಂ ದೆಂಕ್ಣೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ.

569) ಮಾಂವ್ ಸೊಡಿನಾ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ ಸೊಡಿತ್ ತುಕಾ, ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವೆಳಾಕ್ ಯೆಂವ್ಕ್ ಚುಕಾನಾಕಾ.

570) ಮಾಂಯ್ ದೀತ್ ಉಲೊ ಹೊಕ್ಲೆ ನಂಡೊ ದಿತಿತ್ ಹಿಶೆ, ಘಾಗುರ್ ಮಾಂಯೊಂ ಪಳೆಯ್ತಿತ್ ತುಜ್ಕೆ ಗೂಣ್ ಕಶೆ.

571) ಮಾಂಯ್ಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಭಿಯೆ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಲಜೆ, ಶಾಭಾಸ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಜಿಯೆ ಘಾಲ್ಯಾಂ ಕೊಡ್ಯಾಳಾಂತ್.

572) ಮಾಡಾ ವಯ್ಲೊ ನಾಲ್ಕ್ ಖುಬ್ಯಾರ್ ಉರೊನ್ ಸುಕ್ಲೊ, ಸಾಂಗಾತ್ ಆಮ್ಚೊ ಚುಕ್ಲೊ ನಂಡೆ ಭಾವ್ಜಚೊ.

573) ವ್ಹರೆತಾರೆ ಬಾಬಾ, ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ ತುಜ್ಯಾ ಬಾದಾಮ್, ಸಾಡ್ಯಾರ್ ದಿಸ್ತಾ ಮದಾಮ್ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.

574) ವ್ಹರೆತಾಚೆಂ ಘರ್ ಮಾಡಾಮಾಡ್ಯೆಂತ್, ವ್ಹರೆತಾನ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲೊ ದುಡು ಕೊರೊಲ್ಯಾಂ ಸಾಡಿಯೆಂಕ್.

575) ವ್ಹಡಿಲಾಂನಿ ಸಾಂಗ್ಲಾಂ ಆಮ್ಕಾಂ, ಆಮಿ ಸಾಂಗ್ತಾಂವ್ ತುಕಾ, ನ್ಯಾಯ್ ಝುಗ್ಡೆಂ ನಾಕಾ ಆಮ್ಕಾಂ ಜಾಜಾವಾಂಕ್.

576) ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಚ್ಯಾ ಗೊಟ್ಯಾಂತ್ ಘಾಟಾಚೆಂ ಜೋತ್, ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ಸತ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ.

577) ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ವಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಚಡ್ತಾ ದೆಂವ್ತಾ ಪಾಲ್, ಮಾನಾನ್ ಚಲ್ ತುಜ್ಕೆ ಮಾಂಯ್ಚ್ಯಾ ಖಾಲ್.

578) ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಮಾಯೆ ಪಾಲಂವ್ ವ್ಹೊಡ್ ಸಾರ್ಕೊ, ಜಾಂವಯ್ ಮೆಳ್ಳಾ ತುಜ್ಕೆ ಭಾಗೆ ಸಾರ್ಕೊ.

579) ಆಬೊಲ್ಯಾಚೆಂ ಫುಲ್ ತಾಂಬ್ಡೆಂ ತಾಂಬ್ಡೆಂ ದಿಸ್ತಾ, ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಹಾಸ್ತಾ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.

580) ಅಲ್ತೊಡಿಚ್ಯಾನ್ ಮ್ಹಾಕಾ, ಪಲ್ತೊಡಿಚ್ಯಾನ್ ತುಕಾ, ಅಪ್ಲೊಪ್ ವಾಟೆನ್ ಮೆಳ್ಯಾರ್ ಉಲಂವ್ಕ್ ಉಬ್ಗಾನಾಕಾ.

581) ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್ ಬಸೊಂಕ್ ಮಾಂದ್ರಿ ಘಾಲ್ಚಿ, ತಿಸ್ರಿ ಸುನ್ ಜಾಂವ್ಚಿ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.

582) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹಿತ್ಲಾಂತ್ ಪಾತ್ ಫುಲಲಿ, ಸುನೆಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಖುಶೆನ್ ಭುಲಲಿ.

583) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹಿತ್ಲಾಂತ್ ಗುಲೊಬ್ ಫುಲೊಲೊ, ವ್ಹರೆತ್ ಭುಲಲೊ ಹೊಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಗುಣಾಂಕ್.

584) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ ವಾಗ್, ಘಾಲುಂಕ್ ನಾ ಮಾಗ್ ಕೊರೊಲ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಸಾಡಿಯಾಂಕ್.

585) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಕಾರ್ ಕೆಂಳ್ಯಾನ್ ಘಾಲಾ ಘಡಾಯ್, ಸಯ್ರಿಕ್ ಕೆಲ್ಲ್ಯಾ ಮ್ಹಾಲ್ಯಾ ಉಲಯ್ನಾಕಾ ಬಡಾಯ್.

५८६) आंज्यानी हाडलो साडो, भडव्यांनी केली गडी, त्या साड्याच्या गडिये येज्मान पिङ्क दवरी.
५८७) आयशांचें सोडलें नोवशांचे न्हेसली, सिलवांगेली दिसली आमची व्हकाल बाय.
५८८) आयलो उंदीर उडलो ताळ्यार, मोट घाल्यात माळ्यार कोरोल्यांच्या साडियांचे.
५८९) आटां दिसांच्ये होकलेक पंद्रा दिसांचो वायदो, तेल पुसचो कायदो आमच्ये होकलेचो.
५९०) आर्ध्ये बोतलिंतलें सगळ्ये बोतलीक कऱ्या, दोगी सुनो मेळोन मांयक भायर कऱ्या.
५९१) इशेड्डाचो आंबो धाडावन पिकयनाका, वेगळे राव्या म्हण व्हरेताक शिकयनाका.
५९२) दुक्राच्या मासाक मारलो एक कोयतो, वेगळो रांवचो कायदो आमच्ये होकलेचो.
५९३) जालाक काडलें शेण म्हणोन घराक काडली काव, आयच्यान जाली जाव म्हाका सांगाताक.
५९४) जाय फुल्ली झाडा, कसतूर ओहुल्ली वाली, वालेन्सियागार्न जाली आमची होकाल बाय.
५९५) जातां जातां म्हणताली होकाल सिलवांगेली सून, नांवाडल्यात गूण होकाल बरी म्हण.
५९६) रस्माचो साडो झरिच्या फुलांनी विणला, ह्याच साड्यान होकलेक आज सोंभवंक चिंतलां.
५९७) रानांत आरावन दवरल्या खोली, सादी आनी भोळी होकले मांय तुजी.
५९८) रुका वयलो पिंपोळ पानांनी पातळ, उत्रां नितळ होकले व्हरेताचीं.
५९९) रुकार पीकल्ल्या पोणसा मुळांत भोंवता चानी, भावान हाडल्या राणी म्हाक लेख्ना वोनी.
६००) झडांभितर झड तांबड्या गुलोबाचें, नवऱ्याबाबान विंचलां माणीक सोभागेचें.
६०१) रेस्पेराक वेताना मुकार मेळ्ळो पार्वो, वेल बरो मेळ्ळो तुमकां रेस्पेराक.
६०२) रेस्पेर जावंक सालांतल्यान गेलो, हाताक हात दीवन व्हरेत रेस्पेर जालो.
६०३) रेस्पेर जावन हात धुला उदकान, तांचें रेस्पेर जालां भोव तुर्तान.
६०४) रेस्पेर जावन तिवीं देचलीं मार्गा, दसकत पडली वर्गा पाद्री विगाराच्या.
६०५) रेंवाळ गाद्या कणगेच्ये वाली, मिलागार्न जाली आमची होकाल बाय.
६०६) रोसाळ पणसांतलो काडलो एक गरो, मनांत भोव बरो होकले मांव तुजो.
६०७) उडुपिंत पडल्लें मडल कोड्याळाक व्हेलें वोडीत, थंय आसल्लें घडीत आमच्ये होकलेक.
६०८) एका पोपळाच्यो बत्तीस केल्यो फोडी, रांदल्या रांदपाक व्हरेत काडीत खोडी.
६०९) एक पावटीं धुल्लें आयदान दुस्रे पावटीं धुयजे, घर नितळ जायजे होकले मांयक तुज्या.
६१०) एक ग्लास काफी दोन तीन ग्लासांक घाल्या, दोगी तेगी सुनो मेळोन मांय-मांवाची चाक्री कऱ्या.
६११) हून हून काफी कुलेरान निवय, सकाळीं जेंवची सवय होकले भाव्याक तुज्या.
६१२) ह्यावी आयापण कसें सांबाळसी, आयचा साक्रामेंताक फाल्यां पाळो दिशी.
६१३) ह्यावी माटवांत दोगी तेगी बेंडकार, दीस जालो दोनपार येज्मानी तूर्त कर.
६१४) हाड भावा चावी उगड तुजी पेट, दाकय मोट कोरोल्यांच्या साडियांचो.
६१५) होकलेगे बाये व्हरेतागेर भाग, शेंभोर वर्सां माग तुजें आयापण.
६१६) काजाराच्या घरा पोटली सांबाराची, मांय भांगाराची होकले मोग कर.

586) ಆಂಜ್ಯಾನಿ ಹಾಡ್ಲೊ ಸಾಡೊ, ಭಡ್ವ್ಯಾಂನಿ ಕೆಲಿ ಗಡಿ, ತ್ಯಾ ಸಾಡ್ಯಾಚ್ಯಾ ಗಡಿಯೆ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಪಿಡ್ಡುಕ್ ದವ್ರಿ.
587) ಆಯ್ಕಾಂಚೆಂ ಸೊಡ್ಲೆಂ ನೊವ್ಯಾಂಚೆ ನ್ಹೆಸ್ಲಿ, ಸಿಲ್ವಾಂಗೆಲಿ ದಿಸ್ಲಿ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
588) ಆಯ್ಲೊ ಉಂದಿರ್ ಉಡ್ಲೊ ತಾಳ್ಯಾರ್, ಮೊಟ್ ಘಾಲ್ಯಾತ್ ಮಾಳ್ಯಾರ್ ಕೊರೊಲ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಸಾಡಿಯಾಂಚೆ.
589) ಆಟಾಂ ದಿಸಾಂಚ್ಯೆ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಪಂದ್ರಾ ದಿಸಾಂಚೊ ವಾಯ್ದೊ, ತೇಲ್ ಪುಸ್ಚೊ ಕಾಯ್ದೊ ಆಮ್ಚ್ಯೆ ಹೊಕ್ಲೆಚೊ.
590) ಆರ್ಧ್ಯೆ ಬೊತ್ಲಿಂತ್ಲೆಂ ಸಗ್ಳ್ಯೆ ಬೊತ್ಲಿಕ್ ಕರ್ಯಾ, ದೊಗಿ ಸುನೊ ಮೆಳೊನ್ ಮಾಂಯ್ಕ್ ಭಾಯ್ರ್ ಕರ್ಯಾ.
591) ಇಶೆಡ್ವಾಚೊ ಆಂಬೊ ಧಾಡಾವ್ನ್ ಪಿಕಯ್ನಾಕಾ, ವೆಗ್ಗೆ ರಾವ್ಯಾ ಮ್ಹುಣ್ ವ್ಹರೆತಾಕ್ ಶಿಕಯ್ನಾಕಾ.
592) ದುಕ್ರಾಚ್ಯಾ ಮಾಸಾಕ್ ಮಾರ್ಲೊ ಏಕ್ ಕೊಯ್ತೊ, ವೆಗ್ಳೊ ರಾಂವ್ಚೊ ಕಾಯ್ದೊ ಆಮ್ಚ್ಯೆ ಹೊಕ್ಲೆಚೊ.
593) ಜಾಲಾಕ್ ಕಾಡ್ಲೆಂ ಶೆಣ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಘರಾಕ್ ಕಾಡ್ಲಿ ಕಾವ್, ಆಯ್ಬ್ಯೆನ್ ಜಾಲಿ ಜಾವ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಸಾಂಗಾತಾಕ್.
594) ಜಾಯ್ ಫುಲ್ಲಿ ಝುಡಾ, ಕಸ್ತೂರ್ ಒಹುಲ್ಲಿ ವಾಲಿ, ವಾಲೆನ್ಸಿಯಾಗಾರ್ನ್ ಜಾಲಿ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
595) ಜಾತಾಂ ಜಾತಾಂ ಮ್ಹಣ್ತಾಲಿ ಹೊಕಾಲ್ ಸಿಲ್ವಾಂಗೆಲಿ ಸುನ್, ನಾಂವಾಡ್ಲ್ಯೆತ್ ಗೂಣ್ ಹೊಕಾಲ್ ಬರಿ ಮ್ಹುಣ್.
596) ರಸ್ಮಾಚೊ ಸಾಡೊ ಝುರಿಚ್ಯಾ ಫುಲಾಂನಿ ವಿಣ್ಲಾ, ಹ್ಯಾಚ್ ಸಾಡ್ಯಾನ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಆಜ್ ಸೊಂಭಂವ್ಕ್ ಚಿಂತ್ಲಾಂ.
597) ರಾನಾಂತ್ ಆರಾವ್ನ್ ದವರ್ಲ್ಯಾ ಖೊಲಿ, ಸಾದಿ ಆನಿ ಭೊಳಿ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ ತುಜಿ.
598) ರುಕಾ ವಯ್ಲೊ ಪಿಂಪ್ರೊಳ್ ಪಾನಾಂನಿ ಪಾತಳ್, ಉತ್ರಾಂ ನಿತಳ್ ಹೊಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತಾಚೆಂ.
599) ರುಕಾರ್ ಪಿಕ್‌ಲ್ಲ್ಯೆ ಪೊಣ್ಸಾ ಮುಳಾಂತ್ ಭೊಂವ್ತಾ ಚಾನಿ, ಭಾವಾನ್ ಹಾಡ್ಲ್ಯೆ ರಾಣಿ ಮ್ಹಾಕಾ ಲೆಖ್ತಾ ವೊನಿ.
600) ಝುಡಾಂಭಿತರ್ ಝುಡ್ ತಾಂಬ್ಡ್ಯೆ ಗುಲೊಬಾಚೆಂ, ನವ್ರ್ಯೆಬಾಬಾನ್ ವಿಂಚ್ಲಾಂ ಮಾಣಿಕ್ ಸೊಭಾಗೆಚೆಂ.
601) ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ವೆತಾನಾ ಮುಕಾರ್ ಮೆಳ್ಳೊ ಪಾರ್ವೊ, ವೇಲ್ ಬರೊ ಮೆಳ್ಳೊ ತುಮ್ಕಾಂ ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್.
602) ರೆಸ್ಪೆರ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಸಾಲಾಂತ್ಲ್ಯೆನ್ ಗೆಲೊ, ಹಾತಾಕ್ ಹಾತ್ ದೀವ್ನ್ ವ್ಹರೆತ್ ರೆಸ್ಪೆರ್ ಜಾಲೊ.
603) ರೆಸ್ಪೆರ್ ಜಾವ್ನ್ ಹಾತ್ ಧುಲಾ ಉದ್ಕಾನ್, ತಾಂಚೆಂ ರೆಸ್ಪೆರ್ ಜಾಲಾಂ ಭೋವ್ ತುರ್ತಾನ್.
604) ರೆಸ್ಪೆರ್ ಜಾವ್ನ್ ತಿವಿಂ ದೆಚ್ಲೆಂ ಮಾಗ್ಗಾ, ದಸ್ಕತ್ ಪಡ್ಲಿ ವರ್ಗಾ ಪಾದ್ರಿ ವಿಗಾರಾಚ್ಯಾ.
605) ರೆಂವಾಳ್ ಗಾದ್ಯಾ ಕಣ್ಗಚ್ಯೆ ವಾಲಿ, ಮಿಲಾಗ್ರಾನ್ ಜಾಲಿ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
606) ರೊಸಾಳ್ ಪಣ್ಸಾಂತ್ಲೊ ಕಾಡ್ಲೊ ಏಕ್ ಗರೊ, ಮನಾಂತ್ ಭೋವ್ ಬರೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವ್ ತುಜೊ.
607) ಉಡುಪಿಂತ್ ಪಡ್‌ಲ್ಲೆಂ ಮಡಲ್ ಕೊಡ್ಯಾಳಾಕ್ ವ್ಹೆಲೆಂ ವೊಡಿತ್, ಥಂಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ಫಡಿತ್ ಆಮ್ಚ್ಯೆ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.
608) ಏಕಾ ಪೊಪ್ಯಾಚ್ಯೊ ಬತ್ತಿಸ್ ಕೆಲ್ಯೊ ಪೊಡಿ, ರಾಂದ್‌ಲ್ಲ್ಯೆ ರಾಂದ್ಪಾಕ್ ವ್ಹರೆತ್ ಕಾಡಿತ್ ಖೊಡಿ.
609) ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಧುಲ್ಲೆಂ ಆಯ್ಪಾನ್ ದುಸ್ರೆ ಪಾವ್ಟಿಂ ಧುಯ್ಜೆ, ಘರ್ ನಿತಳ್ ಜಾಯ್ಜೆ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
610) ಏಕ್ ಗ್ಲಾಸ್ ಕಾಫಿ ದೋನ್ ತೀನ್ ಗ್ಲಾಸಾಂಕ್ ಘಾಲ್ಯಾ, ದೊಗಿ ತೆಗಿ ಸುನೊ ಮೆಳೊನ್ ಮಾಂಯ್-ಮಾಂವಾಚಿ ಚಾಕ್ರಿ ಕರ್ಯಾ.
611) ಹುನ್ ಹುನ್ ಕಾಫಿ ಕುಲೆರಾನ್ ನಿವಯ್, ಸಕಾಳಿಂ ಜೆಂವ್ಚಿ ಸವಯ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಭಾವ್ಯಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
612) ಹ್ಯಾವಿ ಆಯಾಪಣ್ ಕಸೆಂ ಸಾಂಬಾಳ್ಸಿ, ಆಯ್ಚಾ ಸಾಕ್ರಾಮೆಂತಾಕ್ ಘಾಲ್ಯಾಂ ಪಾಳೊ ದಿಶಿ.
613) ಹ್ಯಾವೀ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ದೊಗಿ ತೆಗಿ ಬೆಂಡ್ಕಾರ್, ದೀಸ್ ಜಾಲೊ ದೊನ್ಪಾರ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ತುರ್ತ್ ಕರ್.
614) ಹಾಡ್ ಭಾವಾ ಚಾವಿ ಉಗಡ್ ತುಜಿ ಪೇಟ್, ದಾಕಯ್ ಮೊಟ್ ಕೊರೊಲ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಸಾಡಿಯಾಂಚೊ.
615) ಹೊಕ್ಲೆಗೆ ಬಾಯೆ ವ್ಹರೆತಾಗೆರ್ ಭಾಗ್, ಶೆಂಭೊರ್ ವರ್ಸಾಂ ಮಾಗ್ ತುಜೆಂ ಆಯಾಪಣ್.
616) ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಪೊಟ್ಲೆ ಸಾಂಬಾರಾಚೆ, ಮಾಂಯ್ ಭಾಂಗಾರಾಚೆ ಹೊಕ್ಲೆ ಮೋಗ್ ಕರ್.

६१७) काठावी मोलायलो शिलारी काडलो, गुलोबी हाडलो होकले भाव्यान तुज्या.
६१८) कोंकण्यांची चली माटवांतल्यान पाशार जाली, थोड्यो वोवियो म्हणोंक येज्मानीन रजा दिली.
६१९) कोड्याळचा गांवांत विकुंक घाला सांबार, तुमकां नांगी खबर वालेन्सिया दिलें म्हण.
६२०) कोड्याळचें पेंटेंत विकुंक घाला विमटो, साडो बरो म्हणोन नंडेन काडलो चिमटो.
६२१) कोड्याळ पडलें मडल येदेंगी तेदें, लोरेट्टोक येंवचें होकलेचें काळीज केदें.
६२२) कोड्याळ वेताना मुकार मेळ्ळें स्टेशन, नवें केलां फेशन आमचा व्हरेतान.
६२३) खोल्या भितर खोलो कासोळेचो, सकडां प्रास भोळो होकले मांव तुजो.
६२४) तकली घुंवली म्हणोन येज्मान बोसल्ली, साडो पळेवंक ऊटल्ली येज्मानिची मुंज तुटली.
६२५) तीन पावटीं उटली येज्मान तीन पावटीं बसली, साडो मोलायताना तिची तकली घुंवली.
६२६) पल्तोडी दऱ्यो आल्तोडी नंय, सक्कड मांयांक घुंवल्ल्या बरी तिकाय घुंवली खंय.
६२७) तेलांत सोडल्ली पोळी भायर भितर भाजता, हून खेल्यार लासता होकले मांवाक तुज्या.
६२८) तेवशीं येवशीं दऱ्यो मधें फुटलें ल्हार, दिषटी पडलें शहर व्हरेताक मांवाड्याचें.
६२९) तेर्सा वेळार तेर्स, वेर्सा वेळार वेर्स, कुटमाचो तेर्स होकले चुकयनाका.
६३०) गिरी गिरी वाल मुसकार चडयली, पिड्डुकेच्या पोडान तिका आयती केली.
६३१) गिरिगिरी दांत्या तुज्या दावे, निमाण्या जावे आमी आपवंक आयल्यांव.
६३२) धर्णीर मारली मूट आनी वोणतीक आयली फूट, जाजावांचो घूट फाल्या सांबाळन व्हर.
६३३) आमच्या गोव्यांत गाब आसा गाय, चार-पांच भुर्गीं घरांत आसोंक जाय.
६३४) होकलेचे केस मोतियांचे घोस, दिसाक दोन घडियो पुणी होरेता सवें बस.
६३५) देखिवंत कुटाम होरेता फाल्यां उबें कर, घरदाराच्या वावरांत होकलेक कुमक कर.
६३६) वयल्या घरा तुका सकयल्या घरा म्हाका, एका बांयच्या उदकाक फाल्या झगडानाका.
६३७) नेणतुल्या पोरांक उत्रांत दुकयनाका, मांयच्या उत्रांक राग दाकयनाका.
६३८) भुर्ग्यांक निदावंक आजी सांग्ता काणी, गुणांनी राणी अमची होकाल बाय.
६३९) मेज अल्मार मांडून मेजार दवरली आल्की, सर्वय आंगान सार्की आमची होकाल बाय.
६४०) घरा मुकार माटवार देंवल्यांत तोवशीं, वरा दिल्यांत नोवसीं ह्या साड्याक.
६४१) घरा मुकले गादे तीन बेळीं वसय, मणीं बसय होकले मांयक तुज्या.
६४२) चांप्याची पाकळी माळिनाका मेकळी, घरा आसा धाकली होकले नणंद तुजी.
६४३) दऱ्यांतली मासळी पिटी पिटी उडता, सुनेक पळेवन मांय मिटियो मार्ता.
६४४) दुक्राचो पिलो मासाचो गुळो, ह्ये सयरिकेक भुल्लो होकले मांव तुजो.
६४५) दोन शेर घाल्च्ये थंय तीन शेर घाल, पतीक पुंजावन नंडांक आपवंक धाड.
६४६) देंकणोच घालो म्हण धरिनाका मनांत, घालिनाका कानांत तुज्या व्हरेताच्या.
६४७) दोगी तेगी जाजावो आमी एका घरिंच्यो, मांयन काडल्यात साडियो जिन्साबरिंच्यो.

617) ಕಾಡಾವಿ ಮೊಲಾಯ್ಲೊ ಶಿಲಾರಿ ಕಾಡ್ಲೊ, ಗುಲೊಬಿ ಹಾಡ್ಲೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಭಾವ್ಯಾನ್ ತುಜ್ಯಾ.

618) ಕೊಂಕ್ಣ್ಯಾಂಚಿ ಚಲಿ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಲಿ, ಥೊಡ್ಯೊ ವೋವಿಯೊ ಮ್ಹಣೊಂಕ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್ ರಜಾ ದಿಲಿ.

619) ಕೊಡ್ಯಾಳ್ಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್ ವಿಕುಂಕ್ ಘಾಲಾ ಸಾಂಬಾರ್, ತುಮ್ಕಾಂ ನಾಂಗಿ ಖಬರ್ ವಾಲೆನ್ಸಿಯಾ ದಿಲೆಂ ಮ್ಹಣ್.

620) ಕೊಡ್ಯಾಳ್ಚ್ಯಾಂ ಪೆಂಟೆಂತ್ ವಿಕುಂಕ್ ಘಾಲಾ ವಿಮ್ಟೊ, ಸಾಡೊ ಬರೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ನಂಡೆನ್ ಕಾಡ್ಲೊ ಚಿಮ್ಟೊ.

621) ಕೊಡ್ಯಾಳ್ ಪಡ್ಲೆಂ ಮಡಲ್ ಯೆದೆಂಗಿ ತೆದೆಂ, ಲೊರೆಟ್ಟೊಕ್ ಯೆಂವ್ಚೆಂ ಹೊಕ್ಲೆಚೆಂ ಕಾಳಿಜ್ ಕೆದೆಂ.

622) ಕೊಡ್ಯಾಳ್ ವೆತಾನಾ ಮುಕಾರ್ ಮೆಳ್ಳೆಂ ಸ್ಟೇಶನ್, ನವೆಂ ಕೆಲಾಂ ಫೆಶನ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾನ್.

623) ಖೊಲ್ಯಾ ಭಿತರ್ ಖೊಲೊ ಕಾಸೊಳೆಚೊ, ಸಕ್ಡಾಂ ಪ್ರಾಸ್ ಭೊಳೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವ್ ತುಜೊ.

624) ತಕ್ಲೆ ಘುಂವ್ಲಿ ಮ್ಹಣೊನ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಬೊಸ್‌ಲ್ಲಿ, ಸಾಡೊ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಉಟ್‌ಲ್ಲಿ ಯೆಜ್ಮಾನಿಚಿ ಮುಂಜ್ ತುಟ್ಲಿ.

625) ತೀನ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಉಟ್ಲಿ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ತೀನ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಬಸ್ಲಿ, ಸಾಡೊ ಮೊಲಾಯ್ತಾನಾ ತಿಚಿ ತಕ್ಲಿ ಘುಂವ್ಲಿ.

626) ಪಲ್ತೊಡಿ ದರ್ಯೊ ಆಲ್ತೊಡಿ ನಂಯ್, ಸಕ್ಕಡ್ ಮಾಂಯಾಂಕ್ ಘುಂವ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಬರಿ ತಿಕಾಯ್ ಘುಂವ್ಲಿ ಖಂಯ್.

627) ತೆಲಾಂತ್ ಸೊಡ್‌ಲ್ಲಿ ಪೊಳಿ ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ಭಾಜ್ತಾ, ಹುನ್ ಖೆಲ್ಯಾರ್ ಲಾಸ್ತಾ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ.

628) ತೆವ್ಶಿಂ ಯೆವ್ಶಿಂ ದರ್ಯೊ ಮಧೆಂ ಫುಟ್ಲೆಂ ಲ್ಹಾರ್, ದಿಷ್ಟಿ ಪಡ್ಲೆಂ ಶಹರ್ ವ್ಹರೆತಾಕ್ ಮಾಂವಾಡ್ಯಾಚೆಂ.

629) ತೇಸ್ರಾ ವೆಳಾರ್ ತೇಸ್ರ್, ವೆಸ್ರಾ ವೆಳಾರ್ ವೇಸ್ರ್, ಕುಟ್ಮಾಚೊ ತೇಸ್ರ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಚುಕಯ್ನಾಕಾ.

630) ಗಿರಿ ಗಿರಿ ವಾಲ್ ಮುಸ್ಕಾರ್ ಚಡಯ್ಲಿ, ಪಿಡ್ಡುಕೆಚ್ಯಾ ಪೊಡಾನ್ ತಿಕಾ ಆಯ್ತಿ ಕೆಲಿ.

631) ಗಿರಿಗಿರಿ ದಾಂತ್ಯಾ ತುಜ್ಯಾ ದಾವೆ, ನಿಮಾಣ್ಯಾ ಜಾವೆ ಆಮಿ ಆಪಂವ್ಕ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾಂವ್.

632) ಧರ್ಣಿರ್ ಮಾರ್ಲಿ ಮೂಟ್ ಆನಿ ವೊಣ್ತಿಕ್ ಆಯ್ಲಿ ಫುಟ್, ಜಾಜಾವಾಂಚೊ ಘುಟ್ ಘಾಲ್ಯಾಂ ಸಾಂಬಾಳ್ನ್ ವ್ಹರ್.

633) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಗೊಟ್ಯಾಂತ್ ಗಾಬ್ ಆಸಾ ಗಾಯ್, ಚಾರ್-ಪಾಂಚ್ ಭುರ್ಗಿಂ ಘರಾಂತ್ ಆಸೊಂಕ್ ಜಾಯ್.

634) ಹೊಕ್ಲೆಚೆ ಕೇಸ್ ಮೊತಿಯಾಂಚೆ ಘೊಸ್, ದಿಸಾಕ್ ದೋನ್ ಘಡಿಯೊ ಪುಣಿ ಹೊರೆತಾ ಸವೆಂ ಬಸ್.

635) ದೆಖಿವಂತ್ ಕುಟಾಮ್ ಹೊರೆತಾ ಘಾಲ್ಯಾಂ ಉಬೆಂ ಕರ್, ಘರ್‌ದಾರಾಚ್ಯಾ ವಾವ್ರಾಂತ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಕುಮಕ್ ಕರ್.

636) ವಯ್ಲ್ಯಾ ಘರಾ ತುಕಾ ಸಕಯ್ಲ್ಯಾ ಘರಾ ಮ್ಹಾಕಾ, ಎಕಾ ಬಾಂಯ್ಚ್ಯಾ ಉದ್ಕಾಕ್ ಘಾಲ್ಯಾಂ ಝುಗ್ಡಾನಾಕಾ.

637) ನೆಣ್ತುಲ್ಯಾ ಪೊರಾಂಕ್ ಉತ್ರಾಂತ್ ದುಕಯ್ನಾಕಾ, ಮಾಂಯ್ಚ್ಯಾ ಉತ್ರಾಂಕ್ ರಾಗ್ ದಾಕಯ್ನಾಕಾ.

638) ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ನಿದಾಂವ್ಕ್ ಆಜಿ ಸಾಂಗ್ತಾ ಕಾಣಿ, ಗುಣಾಂನಿ ರಾಣಿ ಅಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.

639) ಮೆಜ್ ಅಲ್ಕಾರ್ ಮಾಂಡುನ್ ಮೆಜಾರ್ ದವರ್ಲಿ ಆಲ್ಕಿ, ಸರ್ವಯ್ ಆಂಗಾನ್ ಸಾರ್ಕಿ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.

640) ಘರಾ ಮುಕಾರ್ ಮಾಟ್ವಾರ್ ದೆಂವ್ಲ್ಯಾಂತ್ ತೊಪ್ಶಿಂ, ವರಾ ದಿಲ್ಯಾಂತ್ ನೊಪ್ಸಿಂ ಹ್ಯಾ ಸಾಡ್ಯಾಕ್.

641) ಘರಾ ಮುಕ್ಲೆ ಗಾದೆ ತೀನ್ ಬೆಳಿಂ ವಸಯ್, ಮಣಿಂ ಬಸಯ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ಕ್ ತುಜ್ಯಾ.

642) ಚಾಂಪ್ಯಾಚಿ ಪಾಕ್ಳಿ ಮಾಳಿಸಾಕಾ ಮೆಕ್ಳಿ, ಘರಾ ಆಸಾ ಧಾಕ್ಲಿ ಹೊಕ್ಲೆ ನಣಂದ್ ತುಜಿ.

643) ದರ್ಯಾಂತ್ಲಿ ಮಾಸ್ಳಿ ಪಿಟಿ ಪಿಟಿ ಉಡ್ತಾ, ಸುನೆಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಮಾಂಯ್ ಮಿಟಿಯೊ ಮಾರ್ತಾ.

644) ದುಕ್ರಾಚೊ ಪಿಲೊ ಮಾಸಾಚೊ ಗುಳೊ, ಹ್ಯೆ ಸಯ್ರಿಕೆಕ್ ಭುಲ್ಲೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವ್ ತುಜೊ.

645) ದೋನ್ ಶಿರ್ ಘಾಲ್ಚ್ಯಾ ಥಂಯ್ ತೀನ್ ಶಿರ್ ಘಾಲ್, ಪತಿಕ್ ಪುಂಜಾವ್ನ್ ನಂಡಾಂಕ್ ಆಪಂವ್ಕ್ ಧಾಡ್.

646) ದೆಂಕ್ಣೆಚ್ ಘಾಲೊ ಮ್ಹಣ್ ಧರಿನಾಕಾ ಮನಾಂತ್, ಘಾಲಿನಾಕಾ ಕಾನಾಂತ್ ತುಜ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾಚ್ಯಾ.

647) ದೊಗಿ ತೆಗಿ ಜಾಜಾವ್ರೊ ಆಮಿ ಎಕಾ ಘರಿಂಚ್ಯೊ, ಮಾಂಯ್ನ್ ಕಾಡ್ಲ್ಯಾತ್ ಸಾಡಿಯೊ ಜಿನ್ಸಾಬರಿಂಚ್ಯೊ

६४८) देंकणो घालो जाल्यार तोंडाक पळेवन हास, मोगाची रास होकले मांव तुजो.
६४९) येज्मानिच्या हुंबरार उडोन गेलें चिताळ, रांदप जाय नितळ होकले मांवाक तुज्या.
६५०) इक्केरिची राणी चेन्नम्म झजांत घट, मांवा मुकार होकले चुकोनी मारिनाका फट.
६५१) देगे पालवान बरें कापाड आंगान चिके वायट, दुबळ्ये जिण्येक जायत आमच्ये होकलेक.
६५२) बेंतिणिची दोरी काळिगी गोरी, दोत थोडी जाल्यारी होकाल मेळ्ळी बोरी.
६५३) भायर भितर वेताना पांयांक येतीत वोडी, रांदपाक काडीत खोडी होकले मांय तुजी.
६५४) येज्मानिच्या घरा वयर देंवता चडता पाल, मानान चल व्हकले तुज्या मांयिलागीं.
६५५) सांबारा भितर सांबार पियावाचें सरल, संतोवन घाला वोरल वोकलेक साङ्घाचें.
६५६) आलो आनी पालो सालांत एक केलो, आमचे व्हकलेचो साडो नेसवन जालो.

५.१६ पुलां म्हाळताना वोवियो

होकलेक साडो न्हेसयल्या उपरांत फुलां माळचें कार्‍यें होरेताच्या पाडतिच्यो स्त्रीयो चलवन व्हर्तात. मोगऱ्या कळ्यांचे झेले देंववन त्या उपरांत ताळवेर कपालाच्या भंवतणी आबोल्यांच्या फुलांचो अलंकार कर्तात. आदीं थावन अबोलीं काजारी स्त्रीयांनी मात्र माळचो संपरदाय आसल्लो. ह्या वेळार म्हणच्यो वोवियो आश्यो आसात.

६५७) येज्मानिच्या घरा मुखार उदकान भरला तोड, मांय फुलां माळता व्हकले हात जोड.
६५८) भारीक शेलो उदकार पाशार जालो, आतां माळ्यां झेलो तिका आबोल्यांचो.
६५९) कणेरिचो कांटो कणेरीर मोड्या, भांग समा काड्या नेंटे नेनेरिचो.
६६०) पावस येवन उदाक देंवलें वोळिये, मोग्रें फुल्लें ताळवे आमच्ये होकलेक.
६६१) आमी हाडल्यात फुलां कसल्यो त्यो परी, पाती कंरबाळो माळ्या तिच्या केसां सरी.
६६२) पावस येवन तळ्यांत जालो व्हाळो, पाट भर झेलो होकले मांवागेलो.
६६३) फुलांक गेल्लो कोरोलो तानेलोगी भिकेलो, मोती महलांत जेवणाक बसलो.
६६४) फूल भांगार माळून मातें जालें बाया, ह्याच फुलांनी व्हकलेक नवऱ्यागेर पायात.
६६५) फूल भांगार माळन मातें जालें वोजें, खंयच्या गांवाक दिलेंय येज्मान्या भुर्गें तुजें.
६६६) फूल भांगार माळन होकाल सोबली, ताळवेर आबोलीं फुलां भांगाराची.
६६७) भितरल्या कुडांत चिरोन आयल्यो मुयो, आमी हाडल्यांत फुलां तुका जायो जुयो.
६६८) भितर घडला सोवो, भायर घडला मोसो, मोग्री मोलावंक गेलो होकले नंडावो तुजो.
६६९) मुडोच फोडून फापुडलें कलें, काल्चा फुलांनी होकलेक आयतें केलें.
६७०) वारें पावस येवन आंगणी मांडलो शेळो, दोणीर आयलो कळो होकले मांवांगेलो.
६७१) मांवान हाडल्यांत फुलां होकले जायां जुयांचें वोजें, मांय फुलां माळता होकले भाग तुजें.
६७२) माटव शिंवला शिंवत्या मोगऱ्यांनी, मांय फुलां माळता होकले दिवुत्यांनी.

648) ದೆಂಕ್ಣೊ ಫಾಲೊ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ತೊಂಡಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಹಾಸ್, ಮೊಗಾಚೆ ರಾಸ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವ್ ತುಜೊ.

649) ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಹುಂಬ್ರ್ಯಾರ್ ಉಡೊನ್ ಗೆಲೆಂ ಚಿತಾಳ್, ರಾಂದಪ್ ಜಾಯ್ ನಿತಳ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ.

650) ಇಕ್ಕೇರಿಚಿ ರಾಣಿ ಚೆನ್ನಮ್ಮ ಝುಜಾಂತ್ ಘಟ್, ಮಾಂವಾ ಮುಕಾರ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಚುಕೊನಿ ಮಾರಿನಾಕಾ ಫಟ್.

651) ದೆಗೇ ಪಾಲ್ವಾನ್ ಬರೆಂ ಕಾಪಾಡ್ ಆಂಗಾನ್ ಚಿಕೆ ವಾಯ್ಟ್, ದುಬ್ಳ್ಯೆ ಜಿನ್ಸೆಕ್ ಜಾಯ್ತ್ ಆಮ್ಚ್ಯೆ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.

652) ಬೆಂತಿಣಿಚಿ ದೊರಿ ಕಾಳಿಗಿ ಗೊರಿ, ದೋತ್ ಥೊಡಿ ಜಾಲ್ಯಾರೀ ಹೊಕಾಲ್ ಮೆಳ್ಳಿ ಬೊರಿ.

653) ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ವೆತಾನಾ ಪಾಂಯಾಂಕ್ ಯೆತಿತ್ ವ್ರೊಡಿ, ರಾಂದ್ಪಾಕ್ ಕಾಡಿತ್ ಖೊಡಿ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ ತುಜಿ.

654) ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಘರಾ ವಯ್ರ್ ದೆಂವ್ತಾ ಚಡ್ತಾ ಪಾಲ್, ಮಾನಾನ್ ಚಲ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ತುಜ್ಯಾ ಮಾಂಯಿಲಾಗಿಂ.

655) ಸಾಂಬಾರಾ ಭಿತರ್ ಸಾಂಬಾರ್ ಪಿಯಾವಾಚೆಂ ಸರ್ಲೆಂ, ಸಂತೊಪ್ನ್ ಫಾಲಾ ವ್ರೋರ್ಲೆಂ ವ್ರೊಕ್ಲೆಕ್ ಸಾಡ್ಯಾಚೆಂ.

656) ಆಲೊ ಆನಿ ಪಾಲೊ ಸಾಲಾಂತ್ ಏಕ್ ಕೆಲೊ, ಆಮ್ಚೆ ವ್ಹಕ್ಲೆಚೊ ಸಾಡೊ ನೆಸವ್ನ್ ಜಾಲೊ.

5.16 ಫುಲಾಂ ಮ್ಹಾಳ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ಝೊಕ್ತೆರ್ ಸಾಡೊ ನ್ಹೆಸಯ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಫುಲಾಂ ಮಾಳ್ಚೆಂ ಕಾರ್ಯೆಂ ಚೊರತಾಚ್ಯಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಸ್ತ್ರೀಯೊ ಚಲವ್ನ್ ವ್ಹರ್ತಾತ್. ಮೊಗ್ರ್ಯಾ ಕಳ್ಯಾಂಚೆ ಝೆಲೆ ದಂವವ್ನ್ ತ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ತಾಳ್ವೆರ್ ಕಪಾಲಾಚ್ಯಾ ಭಂವ್ತಣಿ ಆಪೊಲ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಫುಲಾಂಚೊ ಅಲಂಕಾರ್ ಕರ್ತಾತ್. ಆದಿಂ ಥಾವ್ನ್ ಅಪೊಲಿಂ ಕಾಜಾರಿ ಸ್ತ್ರೀಯಾಂನಿ ಮಾತ್ರ್ ಮಾಳ್ಚೊ ಸಂಪ್ರದಾಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಆಶ್ಯೊ ಆಸಾತ್.

657) ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಖಾರ್ ಉದ್ಯಾನ್ ಭರ್ಲಾ ತೋಡ್, ಮಾಂಯ್ ಫುಲಾಂ ಮಾಳ್ತಾ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಹಾತ್ ಜೋಡ್.

658) ಭಾರೀಕ್ ಶೆಲೊ ಉದ್ಕಾರ್ ಪಾಶಾರ್ ಜಾಲೊ, ಆತಾಂ ಮಾಳ್ಯಾಂ ಝೆಲೊ ತಿಕಾ ಆಬೊಲ್ಯಾಂಚೊ.

659) ಕಣೆರಿಚೊ ಕಾಂಟೊ ಕಣೆರಿರ್ ಮೊಡ್ಯಾ, ಭಾಂಗ್ ಸಮಾ ಕಾಡ್ಯಾ ನೆಂಟೆ ನೆನೆರಿಚೊ.

660) ಪಾವ್ಸ್ ಯೆವ್ನ್ ಉದಾಕ್ ದೆಂವ್ಲೆಂ ವ್ರೊಳಿಯೆ, ಮೊಗ್ರೆಂ ಫುಲ್ಲೆಂ ತಾಳ್ವೆ ಆಮ್ಚ್ಯೆ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.

661) ಆಮಿ ಹಾಡ್ಲ್ಯಾತ್ ಫುಲಾಂ ಕಸಲ್ಯೊ ತ್ಯೊ ಪರಿ, ಪಾತಿ ಕಂಬ್ರಾಳೋ ಮಾಳ್ಯಾ ತಿಚ್ಯಾ ಕೆಸಾಂ ಸರಿ.

662) ಪಾವ್ಸ್ ಯೇವ್ನ್ ತಳ್ಯಾಂತ್ ಜಾಲೊ ವ್ಹಾಳೊ, ಪಾಟ್ ಭರ್ ಝೆಲೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಗೆಲೊ.

663) ಫುಲಾಂಕ್ ಗೆಲ್ಲೊ ಕೊರೊಲೊ ತಾನೆಲೊಗಿ ಭಿಕೆಲೊ, ಮೋತಿ ಮಹಲಾಂತ್ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ಬಸ್ಲೊ.

664) ಫುಲ್ ಭಾಂಗಾರ್ ಮಾಳುನ್ ಮಾತೆಂ ಜಾಲೆಂ ಬಾಯಾ, ಹ್ಯಾಚ್ ಫುಲಾಂನಿ ವ್ಹಕ್ಲೆಕ್ ನಪ್ರ್ಯೆಗೆರ್ ಪಾಯಾತ್.

665) ಫುಲ್ ಭಾಂಗಾರ್ ಮಾಳ್ನ್ ಮಾತೆಂ ಜಾಲೆಂ ವ್ರೊಜೆಂ, ಖಂಯ್ಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಕ್ ದಿಲೆಂಯ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾ ಭುರ್ಗೆಂ ತುಜೆಂ.

666) ಫುಲ್ ಭಾಂಗಾರ್ ಮಾಳ್ನ್ ಹೊಕಾಲ್ ಸೊಬಲಿ, ತಾಳ್ವೆರ್ ಆಬೊಲಿಂ ಫುಲಾಂ ಭಾಂಗಾರಾಚಿ.

667) ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಂತ್ ಚೆರೊನ್ ಆಯ್ಲ್ಯೊ ಮುಯೊ, ಆಮಿ ಹಾಡ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಫುಲಾಂ ತುಕಾ ಜಾಯೊ ಜುಯೊ.

668) ಭಿತರ್ ಘಡ್ಲಾ ಸೊವ್ರೊ, ಭಾಯ್ರ್ ಘಡ್ಲಾ ಮೊಸೊ, ಮೊಗ್ರಿ ಮೊಲಾಂವ್ ಗೆಲೊ ಹೊಕ್ಲೆ ನಂಡಾವ್ರೊ ತುಜೊ.

669) ಮುಡೊಟ್ ಪ್ರೊಡುನ್ ಘಾಪ್ರುಷ್ಲೆಂ ಕಲೆಂ, ಕಾಲ್ಚಾ ಫುಲಾಂನಿ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಆಯ್ತೆಂ ಕೆಲೆಂ.

670) ವಾರೆಂ ಪಾವ್ಸ್ ಯೆವ್ನ್ ಆಂಗ್ಣಿ ಮಾಂಡ್ಲೊ ಶೆಲೊ, ದೊಣೆರ್ ಆಯ್ಲೊ ಕಳೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಂಗೆಲೊ.

671) ಮಾಂವಾನ್ ಹಾಡ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಫುಲಾಂ ಹೊಕ್ಲೆ ಜಾಯಾಂ ಜುಯಾಂಚೆಂ ವ್ರೊಜೆಂ, ಮಾಂಯ್ ಫುಲಾಂ ಮಾಳ್ತಾ ಹೊಕ್ಲೆ ಭಾಗ್ ತುಜೆಂ.

672) ಮಾಟವ್ ಶಿಂವ್ಲಾ ಶಿಂವ್ತ್ಯಾ ಮೊಗ್ರ್ಯಾಂನಿ, ಮಾಂಯ್ ಫುಲಾಂ ಮಾಳ್ತಾ ಹೊಕ್ಲೆ ದಿವ್ರುತ್ಯಾಂನಿ.

६७३) पाटीर सोडले केस, केसांक माळ्ळीं फुलां, येज्मानीन उतर दिलां गम्मत कर्तां म्हळां.
६७४) पाटीर सोडले केस, केसांक माळ्ळीं फुलां, विसकी दितां म्हणोन येज्मान्यान उतर दिलां.
६७५) मागा महिन्यांत शिंवत्या भोव पान, फुलां माळत्यांव होकले तुजें मातें सान.
६७६) येज्मानिच्या हुंबरार कासोळेचो खोलो, लांब सोडया झेलो त्यावी कसतुरेचो.
६७७) आबोलें फुल्लां आबोल्याच्या रुका, मांय फुलां माळता व्हकले केसान केस.
६७८) आबोलें फुल्लां आबोल्याच्या रुका, जावो धांवोन आयल्यात व्हकले पळेवंक तुका.
६७९) आमच्या घरा मुकार रसबाळ्या केळ्याची सावळी, हाड कोरोल्ये वावळी होकलेचीं फुलां बांधुंक.
६८०) आयताराच्या दिसा लोकाची खेट, नेटवन धाडल्या पेट फुला भांगारान.
६८१) जायच्या कळ्याक कसतूर घाल्या मेकळी, आतां सोडया शिंकळी त्ये कसतुरेची.
६८२) इतलीं फुलां एकटांय करुंक मांयक लागलीं दिंर्गां, साझ्यार हाडल्यांत सुंर्गां फुला भांगाराचीं.
६८३) रुपियाचे बोश्येंत साडो सोबयिला, आबोल्यांचा झेल्यांनी ताका सुंर्गार केला.
६८४) रेस्पेर जावून विगार चडलो माळिये, मोग्रे फुलां ताळवे आमच्या होकलेच्या.
६८५) उदक काडुंक कळमें, उदक शिंपुंक करलें, एका चेंडा फुलांनी होकलेचें मातें भरलें.
६८६) केस उगवन केसांक घाली शेंडी, दांबून माळ्यां पेंडी पाती कंरबाळ्याची.
६८७) केस उगोवन केसांक घाली पांती, ऊरल्ल्या केसांक व्हरेत मोत्यां गुंती.
६८८) तेणे कोण वेता मोगासांगडी व्होवळी, ताळवेर चिकोळी फुलां भांगाराची.
६८९) व्हकलेगे बाये कांय बरे तुजे दोळे, तुज्या नंडानी तुका फुलायिल्ले कळे.
६९०) फूल भांगार माळून व्हकाल हांगागी तिंगा, त्या व्हरेता मंगाक हांगा येवंक सांगा.

५.१७ भांगार घाल्ताना वोवियो

फुलां माळन जाल्या उपरांत होकलेक भांगारान नेटंवचें आसल्लें. आदल्या काळार होरेतान करियमणी बांदची रिवाज नातल्ली. भांगाराची सर्पळी आयापणाचें संकेत जावन होकलेच्या गळ्यांत सोभताली. ही सर्पळी वा पिड्डूक होकलेच्या गळ्या भंवारीं घालन होकलेक आपली सून म्हण सासुमांय स्वीकार कर्ताली. सर्पळी बांधून जाल्या उपरांत गळ्यांत हेर नगांनी होकलेक सुंर्गारायताली. आयच्या काळार होरेतच होकलेक करियमणी बांदता. होकलेक भांगारान न्हेटयताना म्हणच्यो वोवियो आश्यो आसात.

६९१) आयतारा दिसा गेल्यांव आमी मिसाक, भायर काड येज्मानी पिड्डूक कुर्पेच्या दिसा.
६९२) देवाबापा, देवापुत्रा देवास्पिरीत सांता, कुर्पेच्या दिसा येज्मान पिड्डूक बांदता.
६९३) येज्मान पिड्डूक बांदता देवा बापाक समर्पून, ताचेनावीं घेगे होकले आयापण.
६९४) मेयमोचे घालन व्हरेत रावला वांकडो, दांबून घाल्या आंकडो ह्यो पिड्डूकेचो.
६९५) मोतियांचो सर होकले तुका तयार केला, गळ्याक तुजा सोभवंक व्हरेत आयतो रावला.

673) ಪಾಟಿರ್ ಸೊಡ್ಲೆ ಕೆಸ್, ಕೆಸಾಂಕ್ ಮಾಳ್ಳಿಂ ಫುಲಾಂ, ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್ ಉತರ್ ದಿಲಾಂ ಗಮ್ಮತ್ ಕರ್ತಾಂ ಮ್ಹುಣಾಂ.
674) ಪಾಟಿರ್ ಸೊಡ್ಲೆ ಕೆಸ್, ಕೆಸಾಂಕ್ ಮಾಳ್ಳಿಂ ಫುಲಾಂ, ವಿಸ್ಕಿ ದಿತಾಂ ಮ್ಹಣೊನ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾನ್ ಉತರ್ ದಿಲಾಂ.
675) ಮಾಗಾ ಮಕಿನ್ಯಾಂತ್ ಶಿಂವ್ತ್ಯಾ ಭೊವ್ ಪಾನ್, ಫುಲಾಂ ಮಾಳ್ತ್ಯಾಂವ್ ಹೊಕ್ಲೆ ತುಜೆಂ ಮಾತೆಂ ಸಾನ್.
676) ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಹುಂಬ್ರಾರ್ ಕಾಸೊಳೆಚೊ ಖೊಲೊ, ಲಾಂಬ್ ಸೊಡಯಾ ಝುಲೊ ತ್ಯಾವಿ ಕಸ್ತುರೆಚೊ.
677) ಆಬೊಲೆಂ ಫುಲ್ಲಾಂ ಆಬೊಲ್ಯಾಚ್ಯಾ ರುಕಾ, ಮಾಂಯ್ ಫುಲಾಂ ಮಾಳ್ತಾ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಕೆಸಾನ್ ಕೆಸ್.
678) ಆಬೊಲೆಂ ಫುಲ್ಲಾಂ ಆಬೊಲ್ಯಾಚ್ಯಾ ರುಕಾ, ಜಾವ್ನೊ ಧಾಂವ್ರೊನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾತ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ತುಕಾ.
679) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಕಾರ್ ರಸ್ಬಾಳ್ಯಾ ಕೆಳ್ಯಾಚಿ ಸಾವ್ಳಿ, ಹಾಡ್ ಕೊರೊಲ್ಯೆ ವಾವ್ಳಿ ಹೊಕ್ಲೆಚೆಂ ಫುಲಾಂ ಬಾಂಧುಂಕ್.
680) ಆಯ್ತಾರಾಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಲೊಕಾಚಿ ಖೆಟ್, ನೆಟವ್ನ್ ಧಾಡ್ಲ್ಯಾ ಪೆಟ್ ಫುಲಾ ಭಾಂಗಾರಾನ್.
681) ಜಾಯ್‌ಚ್ಯಾ ಕಳ್ಯಾಕ್ ಕಸ್ತುರ್ ಫಾಲ್ಯಾ ಮೆಕ್ಳಿ, ಆತಾಂ ಸೊಡಯಾ ಶಿಂಕ್ಳಿ ತ್ಯೆ ಕಸ್ತುರೆಚಿ.
682) ಇತ್ಲಿಂ ಫುಲಾಂ ಎಕ್ಟಾಂಯ್ ಕರುಂಕ್ ಮಾಂಯ್ಕ್ ಲಾಗ್ಲಿಂ ದಿಂಗ್ರ್ಯಾಂ, ಸಾಡ್ಯಾರ್ ಹಾಡ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಸುಂಗ್ರ್ಯಾಂ ಫುಲಾ ಭಾಂಗಾರಾಚೆಂ.
683) ರುಪಿಯಾಚಿ ಬೊಶ್ಯೆಂತ್ ಸಾಡೊ ಸೊಬಯಿಲಾ, ಆಬೊಲ್ಯಾಂಚಾ ಝುಲ್ಯಾಂನಿ ತಾಕಾ ಸುಂಗ್ರ್ಯಾರ್ ಕೆಲಾ.
684) ರೆಸ್ಪೆರ್ ಜಾವ್ನುನ್ ವಿಗಾರ್ ಚಡ್ಲೊ ಮಾಳಿಯೆ, ಮೊಗ್ರೆ ಫುಲಾಂ ತಾಳ್ವೆ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಚ್ಯಾ.
685) ಉದಕ್ ಕಾಡುಂಕ್ ಕಳ್ಶೆಂ, ಉದಕ್ ಶಿಂಪುಂಕ್ ಕರ್ಲೆಂ, ಏಕಾ ಚೆಂಡಾ ಫುಲಾಂನಿ ಹೊಕ್ಲೆಚೆಂ ಮಾತೆಂ ಭರ್ಲೆಂ.
686) ಕೆಸ್ ಉಗವ್ನ್ ಕೆಸಾಂಕ್ ಫಾಲಿ ಶೆಂಡಿ, ದಾಂಬುನ್ ಮಾಳ್ಯಾಂ ಪೆಂಡೀ ಪಾತಿ ಕಂಬ್ರ್ಯಾಳ್ಯಾಚಿ.
687) ಕೆಸ್ ಉಗೊವ್ನ್ ಕೆಸಾಂಕ್ ಫಾಲಿ ಪಾಂತಿ, ಉರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಕೆಸಾಂಕ್ ವ್ಹರೆತ್ ಮೊತ್ಯಾಂ ಗುಂತಿ.
688) ತೆಜೆ ಕೊಣ್ ವೆತಾ ಮೊಗಾಸಾಂಗ್ತಿ ವ್ಹೊವ್ಳಿ, ತಾಳ್ವೆರ್ ಚಿಕೊಳಿ ಫುಲಾಂ ಭಾಂಗಾರಾಚಿ.
689) ವ್ಹಕ್ಲೆಗೆ ಬಾಯೆ ಕಾಂಯ್ ಬರೆ ತುಜೆ ದೊಳೆ, ತುಜ್ಯಾ ನಂಡಾನಿ ತುಕಾ ಫುಲಾಯಿಲ್ಲೆ ಕಳೆ.
690) ಫುಲ್ ಭಾಂಗಾರ್ ಮಾಳುನ್ ವ್ಹಕಾಲ್ ಹಾಂಗಾಗಿ ತಿಂಗಾ, ತ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾ ಮಂಗಾಕ್ ಹಾಂಗಾ ಯೆಂವ್ಕ್ ಸಾಂಗಾ.

5.17 ಭಾಂಗಾರ್ ಫಾಲ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ಫುಲಾಂ ಮಾಳ್ನ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಭಾಂಗಾರಾನ್ ನೆಟಂವ್ಚೆಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ. ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಹೊರೆತಾನ್ ಕರಿಯಮಣಿ ಬಾಂಧ್ಚಿ ರಿವಾಜ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿ. ಭಾಂಗಾರಾಚಿ ಸರ್ಪಳಿ ಆಯಾಪಣಾಚೆಂ ಸಂಕೇತ್ ಜಾವ್ನ್ ಹೊಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಗಳ್ಯಾಂತ್ ಸೊಭ್ತಾಲಿ. ಹಿ ಸರ್ಪಳಿ ವಾ ಪಿಡ್ಡುಕ್ ಹೊಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಗಳ್ಯಾ ಘಂವಾಡಿಂ ಫಾಲ್ನ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಆಪ್ಲಿ ಸುನ್ ಮ್ಹಣ್ ಸಾಸುಮಾಂಯ್ ಸ್ವೀಕಾರ್ ಕರ್ತಾಲಿ. ಸರ್ಪಳಿ ಬಾಂಧುನ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಗಳ್ಯಾಂತ್ ಹೆರ್ ನಗಾಂನಿ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಸುಂಗ್ರ್ಯಾರಾಯ್ತಾಲಿ. ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಹೊರೆತ್‌ಚ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಕರಿಯಮಣಿ ಬಾಂದ್ತಾ. ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಭಾಂಗಾರಾನ್ ನ್ಹೆಟಯ್ತಾನಾ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಅಶ್ಯೊ ಆಸಾತ್.

691) ಆಯ್ತಾರಾ ದಿಸಾ ಗೆಲ್ಯಾಂವ್ ಆಮಿ ಮಿಸಾಕ್, ಭಾಯ್ರ್ ಕಾಡ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಪಿಡ್ಡುಕ್ ಕುರ್ಪೆಚ್ಯಾ ದಿಸಾ.
692) ದೆವಾಬಾಪಾ, ದೆವಾಪುತ್ರಾ ದೆವಾಸ್ಪಿರಿತ್ ಸಾಂತಾ, ಕುರ್ಪೆಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಪಿಡ್ಡುಕ್ ಬಾಂದ್ತಾ.
693) ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಪಿಡ್ಡುಕ್ ಬಾಂದ್ತಾ ದೆವಾ ಬಾಪಾಕ್ ಸಮರ್ಪುನ್, ತಾಚೆನಾವಿಂ ಘೆಗೆ ಹೊಕ್ಲೆ ಆಯಾಪಣ್.
694) ಮೆಯ್‌ಮೊಚೆ ಫಾಲ್ನ್ ವ್ಹರೆತ್ ರಾವ್ಲಾ ವಾಂಕ್ಡೊ, ದಾಂಬುನ್ ಫಾಲ್ಯಾ ಆಂಕ್ಡೊ ಹ್ಯೆ ಪಿಡ್ಡುಕೆಚೊ.
695) ಮೊತಿಯಾಂಚೊ ಸರ್ ಹೊಕ್ಲೆ ತುಕಾ ತಯಾರ್ ಕೆಲಾ, ಗಳ್ಯಾಕ್ ತುಜಾ ಸೊಭಂವ್ಕ್ ವ್ಹರೆತ್ ಆಯ್ತೊ ರಾವ್ಲಾ.

६९६) आयतारा दिसा आमीं गेल्ल्यांव मिसा, बांद येज्मानी नेकलेस कुर्पेच्या दिसा.
६९७) भायल्यान आयलें तारूं तार्वार आयलीं बुलां, सक्कड भांगार केलां व्हरेतान चिंची फुलां.
६९८) भांगाराची मुदी बोटा सरासरी, जावां बराबरी आमची होकाल बाय.
६९९) भाजल्ली मासळी शिमटेन कर्पाली, खुरीस सर्पळी व्हकले तुजें आयापण.
७००) सोनाराच्या हाता भांगाराची पेट, हेंच भांगार घालन होकले सदांच नेट.
७०१) सोनाराचे साळे दिसाक दिवे जळे, चंद्र सूऱ्यो खेळे तुज्या पिड्डुकेर.
७०२) नारल भेतून नारलाचें केल्यांत वोळीं, मांयन धाडल्यांत बोळीं होकले भांगाराचीं.
७०३) व्हकलेगे बाये गळ्यांत तुज्या सरी, आपलें धुवे बरी मांय तुजो मोग करी.
७०४) व्हकलेगे बाये गळ्यांत तुज्या सरी, तुजे कायदे केल्यार मांय तुजे बरी.
७०५) आंकवारी माये सर्गार तुजे हात, बेसांव दी सात तिच्ये सर्पळेक.
७०६) हांव पिड्डुक बांधतां, कोण म्हण चिंत्सी, फाल्या वळकसी मांय म्हण तुजी.
७०७) केस उगोवन केसांक घाली पांती, ऊरल्ल्या केसांक व्हरेत लायता मोतीं.
७०८) किन्निगोळिच्या पेंटेंत विकुंक घाल्यांत बोडकां, साड्यार हाडल्यांत कुडकां तुज्या व्हरेतान.
७०९) किरंगळी मुदी उसळ्ळी ती बीदी, कुळियेवंत सोदी आमचो येज्मानी.
७१०) गांवचो सोनार व्हरेताचो इषट, नवी केल्या शिसत ह्या नेकलेसाक.
७११) गोंयचो सोनार गांवच्या सोनाराक लेख्ता, नेकलेस बरो सोभता आमच्या व्हकलेक.
७१२) दऱ्यांतलो शेवटो जाळान मोगोर पाग्ता, बरेंपण माग्तां तुज्ये पिड्डुकेक.
७१३) किरिकिरी वाल मुसकार चडयली, नेकलेसाच्या पोडान तिका उबी केली.
७१४) काळी पिड्डुक आणसिच्या सुता, सोबागेच्या पुताक होकले आवक माग.
७१५) काळी पिड्डुक हाडल्या पयश्याची, धाडल्या सासणाची होकले मांयन तुज्या.
७१६) काळी पिड्डुक कासाचिगी सासाची, कोसेसांव मायेच्या बेसांवाची आद्र वयर.
७१७) कामारा सावळे दिसाक दिवे पेटय, सदां घालन नेटय तुजें आयापण.
७१८) एका कानाक आल्की एका कानाक काप, मांयन काडल्या वोप होकले भांगाराची.
७१९) केंळबोच कातर्न केंळब्याचो काडलो दोर, मांयन करयला फुगादोर गळोभर.
७२०) काजाराच्या घरा कुवाळो शिरेसट, देव गिरेसत पिड्डुकेक बेसांव दींव.
७२१) केंळबोच कातर्न उडयिलो दोर, गळो भर सर तुका नोवऱ्यागेर.
७२२) किन्निगोळिच्ये पेंटेंत विकुंक घाल्यांत बोडकां, साड्यार हाडल्यांत कुडकां तुज्या व्हरेतान.

५.१८ सोव्यार बसताना वोवियो

होकलेक साड्यान, फुला-भांगारान नेटवन जाल्या उपरांत वोवियां मुकांत्र स्त्रीयो होकाल तयार जाल्या म्हण होरेताक कळयतालीं आनी येवन हात धर्न आपवन व्हरुंक सांग्तालीं. होकाल आनी होरेत दोगांय सोव्यार बसोंक वेताना म्हणच्यो वोवियो ह्यो.

७२३) व्होवळ्यां मधें होकाल जाल्या आयती, धर्न उज्व्या हाती व्हरेता आपवन व्हर.
७२४) आयच्यान सोड होकले आंकवारपणाचो भेस, साडो न्हेसोन नोवऱ्यासंगीं सोव्यार बस.
७२५) व्हरेत आमचो बाब पाटीं पाटीं सर्ता, किरंगळी धर्न होकलेक सोव्याक व्हर्ता.

696) ಆಯ್ತಾರಾ ದಿಸಾ ಆಮಿಂ ಗೆಲ್ಲ್ಯಾಂವ್ ಮಿಸಾ, ಬಾಂದ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ನೆಕ್ಲೆಸ್ ಕುರ್ಪೆಚ್ಯಾ ದಿಸಾ.
697) ಭಾಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಯ್ಲೆಂ ತಾರುಂ ತಾರ್ವಾರ್ ಆಯ್ಲಿಂ ಬುಲಾಂ, ಸಕ್ಕಡ್ ಭಾಂಗಾರ್ ಕೆಲಾಂ ವ್ಹರೆತಾನ್ ಚೆಂಚಿ ಫುಲಾಂ.
698) ಭಾಂಗಾರಾಚಿ ಮುದಿ ಬೊಟಾ ಸರಾಸರಿ, ಜಾವಾಂ ಬರಾಬರಿ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
699) ಭಾಜ್‌ಲ್ಲಿ ಮಾಸ್ಳಿ ಶಿಮ್ಟೆನ್ ಕರ್ಪಾಲಿ, ಖುರಿಸ್ ಸರ್ಪಳಿ ವ್ಹಕ್ಲೆ ತುಜೆಂ ಆಯಾಪಣ್.
700) ಸೊನಾರಾಚ್ಯಾ ಹಾತಾ ಭಾಂಗಾರಾಚಿ ಪೆಟ್, ಹೆಂಚ್ ಭಾಂಗಾರ್ ಘಾಲ್ನ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಸದಾಂಚ್ ನೆಟ್.
701) ಸೊನಾರಾಚೆ ಸಾಳೆ ದಿಸಾಕ್ ದಿವೆ ಜಳೆ, ಚಂದ್ರ್ ಸುರ್ಯೊ ಖೆಳೆ ತುಜ್ಯಾ ಪಿಡ್ಡುಕೆರ್.
702) ನಾರ್ಲ್ ಭೆತುನ್ ನಾರ್ಲಾಚೆಂ ಕೆಲ್ಯಾಂತ್ ವ್ರೊಳೆಂ, ಮಾಂಯ್ನ್ ಧಾಡ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಬೊಳೆಂ ಹೊಕ್ಲೆ ಭಾಂಗಾರಾಚೆಂ.
703) ವ್ಹಕ್ಲೆಗೆ ಬಾಯೆ ಗಳ್ಯಾಂತ್ ತುಜ್ಯಾ ಸರಿ, ಆಪ್ಲೆಂ ಧುವೆ ಬರಿ ಮಾಂಯ್ ತುಜೊ ಮೋಗ್ ಕರಿ.
704) ವ್ಹಕ್ಲೆಗೆ ಬಾಯೆ ಗಳ್ಯಾಂತ್ ತುಜ್ಯಾ ಸರಿ, ತುಜೆ ಕಾಯ್ದೆ ಕೆಲ್ಯಾರ್ ಮಾಂಯ್ ತುಜೆ ಬರಿ.
705) ಆಂಕ್ವಾರಿ ಮಾಯೆ ಸರ್ಗಾರ್ ತುಜೆ ಹಾತ್, ಬೆಸಾಂವ್ ದೀ ಸಾತ್ ತಿಚ್ಯೆ ಸರ್ಪಳೆಕ್.
706) ಹಾಂವ್ ಪಿಡ್ಡುಕ್ ಬಾಂಧ್ತಾಂ, ಕೊಣ್ ಮ್ಹಣ್ ಚಿಂತ್ಸಿ, ಘಾಲ್ಯಾ ವಳ್ಕಸಿ ಮಾಂಯ್ ಮ್ಹಣ್ ತುಜಿ.
707) ಕೇಸ್ ಉಗೊವ್ನ್ ಕೆಸಾಂಕ್ ಘಾಲಿ ಪಾಂತಿ, ಉರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಕೆಸಾಂಕ್ ವ್ಹರೆತ್ ಲಾಯ್ತಾ ಮೊತಿಂ.
708) ಕಿನ್ನಿಗೊಳಿಚ್ಯಾ ಪೆಂಟೆಂತ್ ವಿಕುಂಕ್ ಘಾಲ್ಯಾಂತ್ ಬೊಡ್ಕಾಂ, ಸಾಡ್ಯಾರ್ ಹಾಡ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಕುಡ್ಕಾಂ ತುಜ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾನ್.
709) ಕಿರಂಗಳಿ ಮುದಿ ಉಸಳ್ಳಿ ತಿ ಬೀದಿ, ಕುಳಿಯೆವಂತ್ ಸೊದಿ ಆಮ್ಚೊ ಯೆಜ್ಮಾನಿ.
710) ಗಾಂವ್ಚ್ಯೊ ಸೊನಾರ್ ವ್ಹರೆತಾಚೊ ಇಷ್ಟ್, ನವಿ ಕೆಲ್ಯಾ ಶಿಸ್ತ್ ಹ್ಯಾ ನೆಕ್ಲೆಸಾಕ್.
711) ಗೊಂಯ್ಚ್ಯೊ ಸೊನಾರ್ ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಸೊನಾರಾಕ್ ಲೆಖ್ತಾ, ನೆಕ್ಲೆಸ್ ಬರೊ ಸೊಭ್ತಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹಕ್ಲೆಕ್.
712) ದರ್ಯಾಂತ್ಲೊ ಶಿವ್ಲೊ ಜಾಳಾನ್ ಮೊಗೊರ್ ಪಾಗ್ತಾ, ಬರೆಂಪಣ್ ಮಾಗ್ತಾಂ ತುಜ್ಯೆ ಪಿಡ್ಡುಕೆಕ್.
713) ಕಿರಿಕಿರಿ ವಾಲ್ ಮುಸ್ಕಾರ್ ಚಡಯ್ಲಿ, ನೆಕ್ಲೆಸಾಚ್ಯಾ ಪ್ರೊಡಾನ್ ತಿಕಾ ಉಬಿ ಕೆಲಿ.
714) ಕಾಳಿ ಪಿಡ್ಡುಕ್ ಆಣಸಿಚ್ಯಾ ಸುತಾ, ಸೊಬಾಗೆಚ್ಯಾ ಪುತಾಕ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಆವ್ಕ್ ಮಾಗ್.
715) ಕಾಳಿ ಪಿಡ್ಡುಕ್ ಹಾಡ್ಲ್ಯಾ ಪಯ್ಯ್ಯಾಚಿ, ಧಾಡ್ಲ್ಯಾ ಸಾಸ್ಲಾಚಿ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ.
716) ಕಾಳಿ ಪಿಡ್ಡುಕ್ ಕಾಸಾಚೆಗಿ ಸಾಸಾಚಿ, ಕೊಸೆಸಾಂವ್ ಮಾಯೆಚ್ಯಾ ಬೆಸಾಂವಾಚಿ ಆದ್ರ ವಯ್ರ್.
717) ಕಾಮಾರಾ ಸಾವ್ನೆ ದಿಸಾಕ್ ದಿವೆ ಪೆಟಯ್, ಸದಾಂ ಘಾಲ್ನ್ ನೆಟಯ್ ತುಜೆಂ ಆಯಾಪಣ್.
718) ಎಕಾ ಕಾನಾಕ್ ಆಲ್ಕಿ ಎಕಾ ಕಾನಾಕ್ ಕಾಪ್, ಮಾಂಯ್ನ್ ಕಾಡ್ಲ್ಯಾ ವ್ರೊಪ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಭಾಂಗಾರಾಚಿ.
719) ಕೆಂಳ್ಳೊಚ್ ಕಾತರ್ನ್ ಕೆಂಳ್ಯಾಚೊ ಕಾಡ್ಲೊ ದೋರ್, ಮಾಂಯ್ನ್ ಕರಯ್ಲ್ಲಿ ಫುಗಾದೊರ್ ಗಳೊಭರ್.
720) ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಕುವಾಳೊ ಶಿರೆಸ್ಟ್, ದೇವ್ ಗಿರೇಸ್ತ್ ಪಿಡ್ಡುಕೆಕ್ ಬೆಸಾಂವ್ ದೀಂವ್.
721) ಕೆಂಳ್ಳೊಚ್ ಕಾತರ್ನ್ ಉಡಯಿಲೊ ದೋರ್, ಗಳೊ ಭರ್ ಸರ್ ತುಕಾ ನೊವ್ರ್ಯಾಗೆರ್.
722) ಕಿನ್ನಿಗೊಳಿಚ್ಯೆ ಪೆಂಟೆಂತ್ ವಿಕುಂಕ್ ಘಾಲ್ಯಾಂತ್ ಬೊಡ್ಕಾಂ, ಸಾಡ್ಯಾರ್ ಹಾಡ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಕುಡ್ಕಾಂ ತುಜ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾನ್

5.18 ಸೊವ್ಯಾರ್ ಬಸ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಸಾಡ್ಯಾನ್, ಫುಲಾ-ಭಾಂಗಾರಾನ್ ನೆಟವ್ನ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ವೊಪಿಯಾಂ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಸ್ತ್ರೀಯೊ ಹೊಕಾಲ್ ತಯಾರ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಮ್ಹುಣ್ ಹೊರೆತಾಕ್ ಕಳಯ್ತಾಲಿಂ ಆನಿ ಯೇವ್ನ್ ಹಾತ್ ಧರ್ನ್ ಆಪವ್ನ್ ವ್ಹರುಂಕ್ ಸಾಂಗ್ತಾಲಿಂ. ಹೊಕಾಲ್ ಆನಿ ಹೊರೆತ್ ಮೊಗಾಂಯ್ ಸೊವ್ಯಾರ್ ಬಸೊಂಕ್ ವೆತಾನಾ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ಹ್ಯೊ.

723) ವ್ಹೊವ್ಯಾಂ ಮಧೆಂ ಹೊಕಾಲ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಆಯ್ತಿ, ಧರ್ನ್ ಉಜ್ವ್ಯಾ ಹಾತಿ ವ್ಹರೆತಾ ಆಪವ್ನ್ ವ್ಹರ್.
724) ಆಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಸೊಡ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಅಂಕ್ವಾರ್‌ಪಣಾಚೊ ಭೆಸ್, ಸಾಡೊ ನ್ಹೆಸೊನ್ ನೊವ್ರ್ಯಾಸುಗಿಂ ಸೊವ್ಯಾರ್ ಬಸ್.
725) ವ್ಹರೆತ್ ಆಮ್ಚೊ ಬಾಬ್ ಪಾಟಿಂ ಪಾಟಿಂ ಸರ್ತಾ, ಕಿರಂಗಳಿ ಧರ್ನ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಸೊವ್ಯಾಕ್ ವ್ಹರ್ತಾ.

७२६) सन्वाराचो दीस आयताराक लागीं, तुमची होकाल आज व्हरेतालागीं.
७२७) सावळ्या आंगाक पितांबर हीत, पुन्यांचो मांव तुका आनंद दीत.
७२८) फूल फुल्लें रुका, पर्मळ आयलो नाका, कितें पळेयताय व्हरेता होकाल आयच्यान तुका.
७२९) व्हरेत पोवळें होकाल आबोलें, कोणे म्हाल्यांनी तांचें जोडें केलें.
७३०) सकाळीं उटोन केळीक घाल गोबर, घोवागेली खबर सांगोनाका आवयगेर
७३१) आडाप खडाप बांदून, खडपी पंदा बांदलें घर, व्होवळ्या मधल्ये होकलेक व्हरेता सोधून व्हर.
७३२) इशेङ्गाचो आंबो हातांत धर्तां मोव, सोव्यार व्हरात लोव आमच्या व्हकलेक.
७३३) काजाराच्या माटवाक शिरोतिगी पान, पयलो दिया मान वाङ्याच्या गुर्काराक.
७३४) काजाराच्या घरा लोकगी रयत, कोसेस माय सयत जेजून येतां म्हळां.
७३५) काजाराच्या घरा जनेलां सोडलीं वारयो, शिंतीद ना थारयां, आमचा येज्मान्याचें.
७३६) काजार जालोय म्हण व्हड जायनाका, आवय बापायक व्हरेता सांडून घालिनाका.
७३७) काजार काजारयांहक मुदी आंकवारयां?क, आसी आर्थ आसली आमकां शेजाऱ्यांक.
७३८) देवाबापान केली सयरीक आंज भडवो मालो, पवित्र आत्मो आयलो तुमका बेसांव दीवंक.

५.१९ आयेर कर्ताना वोवियो

आदल्या काळार नव्यान काजार जाल्ल्या जोड्याक तांच्या मुकल्या कुटमा जीवनाक आधार जावन काजाराच्या दिसा कुटमाचीं, दायजी आनी वोवळीं होकले नवऱ्याक पयश्यांरुपीं वा वसतुरुपीं काणिको वा आयेर दितालीं. ह्या वेळार आयेर दितल्यांची नांवां, कोणें कितें दिलां म्हण वाङ्याचो गुर्कार व्हडल्यान उलो कर्न सांग्तालो. पूण आजकाल सुद्राल्ल्या आर्थीक स्थितेनिमर्ती आयेर दिंवचो वा घेंवचो संपरदाय नांच जाला. आयेर दिताना गांवच्यो वोवियो आश्यो आसल्ल्यो.

७३९) बारा भांगाराच्यो सिंपोलीन बारा रुपियांच्यो, आशें चोवीस मुदियो सिंपोलीन व्हरेता मांवाङ्याचो.
७४०) बापायची भयण सिंपोलीन म्हाका लेक्ता आकय, मांवाङ्याचो मुदियो व्हरेता आमकां सकडांक दाकय.
७४१) लग्नां परबां वेळार व्हरेता मुदियो बोटांक नेटय, आयेर केलेल्या सर्वय सयऱ्यांचो उपकार मतिंत आटय.
७४२) कोयतो मारलो मासा उसाळ्ळेलें हाड, मांव आयेर कर्ता होरेता चेपें काड.
७४३) रांदणिंत उजो करुंक व्हळू आगटें लागय, मांय आयेर कर्ता होरेता तकले भागय.
७४४) सांत भक्त आमकां पात्रोन सावेर, आवयचो आयेर होकले सदां उगडास दवर.
७४५) सोमार सोमाराक आयतार आयताराक, मांयन हाडलां पुडवें होरेताक आयेराक.
७४६) दाकट्या मुङ्या वर्नी व्हडल्या मुङ्याक जडाय, मांवान हाडला घडात होरेताक आयेराक.
७४७) शिरांधारिंचो पावस वोतलो गांवार, मानाचो आयेर होकले मांवान केलो.
७४८) भाताच्या राशीर, बसोन आसा कावळो, मुंडासगार मावळो आतां आयेर कर्ता.
७४९) आमच्या हितलांत वाडला काराणो, आतां आयेर कर्ता मानाचो मिवणो.
७५०) सकाळीं फुडें धर्णीर पडलो दोव, आतां आयेर कर्ता मोगाचो भाव.
७५१) एक तोडवें तांदूळ, बाये वासुडन काडगो कुंडो, तुज्या नोवऱ्याच्या कुसतार, बाये लोणियेंत कागो उंडो.

726) ಸನ್ವಾರಾಚೊ ದೀಸ್ ಆಯ್ತಾರಾಕ್ ಲಾಗಿಂ, ತುಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಆಜ್ ವ್ಹರೆತಾಲಾಗಿಂ.
727) ಸಾವ್ಳ್ಯಾ ಆಂಗಾಕ್ ಪಿತಾಂಬರ್ ಹಿತ್, ಪುನ್ಯಾಂಚೊ ಮಾಂವ್ ತುಕಾ ಆನಂದ್ ದೀತ್.
728) ಫುಲ್ ಫುಲ್ಲೆಂ ರುಕಾ, ಪರ್ಮಳ್ ಆಯ್ಲೊ ನಾಕಾ, ಕಿತೆಂ ಪಳೆಯ್ತಾಯ್ ವ್ಹರೆತಾ ಹೊಕಾಲ್ ಆಯ್ಚ್ಯಾನ್ ತುಕಾ.
729) ವ್ಹರೆತ್ ಪ್ರೊವ್ಣೆಂ ಹೊಕಾಲ್ ಆಬೊಲೆಂ, ಕೊಣೆ ಮ್ಹಾಲ್ಯಾಂನಿ ತಾಂಚೆಂ ಜೊಡೆಂ ಕೆಲೆಂ.
730) ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ಕೆಳಿಕ್ ಘಾಲ್ ಗೊಬರ್, ಘೊವಾಗೆಲಿ ಖಬರ್ ಸಾಂಗೊನಾಕಾ ಆವಯ್‌ಗೆರ್
731) ಆಡಾಪ್ ಖಡಾಪ್ ಬಾಂದುನ್, ಖಡ್ಪಿ ಪಂದಾ ಬಾಂದ್ಲೆಂ ಘರ್, ವ್ಹೊವ್ಳ್ಯಾ ಮಧ್ಲ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ವ್ಹರೆತಾ ಸೊಧುನ್ ವ್ಹರ್.
732) ಇಸೆಡ್ಚ್ಯಾಚೊ ಆಂಬೊ ಹಾತಾಂತ್ ಧರ್ತಾಂ ಮೋವ್, ಸೊವ್ಯಾರ್ ವ್ಹರಾತ್ ಲೋವ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹಕ್ಲೆಕ್.
733) ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಕ್ ಶಿರೊತಿಗಿ ಪಾನ್, ಪಯ್ಲೊ ದಿಯಾ ಮಾನ್ ವಾಡ್ಯಾಚ್ಯಾ ಗುರ್ಕಾರಾಕ್.
734) ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಲೋಕ್‌ಗಿ ರಯ್ತ್, ಕೊಸೆಸ್ ಮಾಯ್ ಸಯ್ತ್ ಜೆಜುನ್ ಯೆತಾಂ ಮ್ಹಳಾಂ.
735) ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಜನೆಲಾಂ ಸೊಡ್ಲಿಂ ವಾರ್‍ಯಾ, ಶಿಂತಿದ್ ನಾ ಥಾರ್‍ಯಾ, ಆಮ್ಚಾ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಚೆಂ.
736) ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲೊಯ್ ಮ್ಹಣ್ ವ್ಹಡ್ ಜಾಯ್ನಾಕಾ, ಆವಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ವ್ಹರೆತಾ ಸಾಂಡುನ್ ಘಾಲಿನಾಕಾ.
737) ಕಾಜಾರ್ ಕಾಜಾರ್‍ಯಾಂಕ್ ಮುದಿ ಆಂಕ್ವಾರ್‍ಯಾಂಕ್, ಆಸಿ ಆರ್ಥ್ ಆಸ್ಲಿ ಆಮ್ಕಾಂ ಶೆಜಾರ್‍ಯಾಂಕ್.
738) ದೆವಾಬಾಪಾನ್ ಕೆಲಿ ಸಯ್ರಿಕ್ ಆಂಜ್ ಭಡ್ವೊ ಮಾಲೊ, ಪವಿತ್ರ್ ಆತ್ಮೊ ಆಯ್ಲೊ ತುಮ್ಕಾಂ ಬೆಸಾಂವ್ ದೀಂವ್ಕ್.

5.19 ಆಯೆರ್ ಕರ್ತಾನಾ ವೊವಿಯೊ

ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ನವ್ಯಾನ್ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಜೊಡ್ಯಾಕ್ ತಾಂಚ್ಯಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಕುಟ್ಮ ಜೀವನಾಕ್ ಆಧಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಕುಟ್ಮಾಚಿಂ, ದಾಯ್ಜಿ ಆನಿ ವೊಪ್ಲಿಂ ಹೊಕ್ಲೆ ನವ್ರ್ಯಾಕ್ ಪಯ್ಶ್ಯಾಂರುಪಿಂ ವಾ ವಸ್ತುರುಪಿಂ ಕಾಣಿಕೊ ವಾ ಆಯೆರ್ ದಿತಾಲಿಂ. ಹ್ಯಾ ವೇಳಾರ್ ಆಯೆರ್ ದಿತಲ್ಯಾಂಚಿಂ ನಾಂವಾಂ, ಕೊಣೆಂ ಕಿತೆಂ ದಿಲಾಂ ಮ್ಹಣ್ ವಾಡ್ಯಾಚೊ ಗುರ್ಕಾರ್ ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾನ್ ಉಲೊ ಕರ್ನ್ ಸಾಂಗ್ತಾಲೊ. ಪುಣ್ ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ಸುದಾರ್ಲ್ಯಾ ಆರ್ಥಿಕ್ ಸ್ಥಿತೆನಿಮ್ತಿಂ ಆಯೆರ್ ದಿಂವ್ಚೊ ವಾ ಘೆಂವ್ಚೊ ಸಂಪ್ರದಾಯ್ ನಾಂಚ್ ಜಾಲಾ. ಆಯೆರ್ ದಿತಾನಾ ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ ವೊಪಿಯೊ ಆಸ್ಚ್ಯೊ ಆಸ್ಲ್ಯೊ.

739) ಬಾರಾ ಭಾಂಗಾರಾಚ್ಯೊ ಸಿಂಪ್ರೊಲಿನ್ ಬಾರಾ ರುಪಿಯಾಂಚ್ಯೊ, ಆಶೆಂ ಚೊವಿಸ್ ಮುದಿಯೊ ಸಿಂಪ್ರೊಲಿನ್ ವ್ಹರೆತಾ ಮಾಂವಾಡ್ಯಾಚೊ.
740) ಬಾಪಾಯ್ಚಿ ಭಯ್ಣ್ ಸಿಂಪ್ರೊಲಿನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಲೆಕ್ತಾ ಆಕಯ್, ಮಾಂವಾಡ್ಯಾಚೊ ಮುದಿಯೊ ವ್ಹರೆತಾ ಆಮ್ಕಾಂ ಸಕ್ತಾಂಕ್ ದಾಕಯ್.
741) ಲಗ್ನಾಂ ಪರ್ಬಾಂ ವೇಳಾರ್ ವ್ಹರೆತಾ ಮುದಿಯೊ ಬೊಟಾಂಕ್ ನೆಟಯ್, ಆಯೆರ್ ಕೆಲೆಲ್ಯಾ ಸರ್ವಾಯ್ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಚೊ ಉಪ್ಕಾರ್ ಮತಿಂತ್ ಆಟಯ್.
742) ಕೊಯ್ತೊ ಮಾರ್ಲೊ ಮಾಸಾ ಉಸಾಳ್ಳೆಲೆಂ ಹಾಡ್, ಮಾಂವ್ ಆಯೆರ್ ಕರ್ತಾ ಹೊರೆತಾ ಚೆಪೆಂ ಕಾಡ್.
743) ರಾಂದ್ಣಿಂತ್ ಉಜೊ ಕರುಂಕ್ ವ್ಹಳೂ ಆಗ್ಟೆಂ ಲಾಗಯ್, ಮಾಂಯ್ ಆಯೆರ್ ಕರ್ತಾ ಹೊರೆತಾ ತಕ್ಲೆ ಭಾಗಯ್.
744) ಸಾಂತ್ ಭ್ರಸ್ತ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಪಾತ್ರೊನ್ ಸಾವೆರ್, ಆವಯ್ಚೊ ಆಯೆರ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಸದಾಂ ಉಗ್ಡಾಸ್ ದವರ್.
745) ಸೊಮಾರ್ ಸೊಮಾರಾಕ್ ಆಯ್ತಾರ್ ಆಯ್ತಾರಾಕ್, ಮಾಂಯ್ನ್ ಹಾಡ್ಲಾಂ ಫುಡ್ವೆಂ ಹೊರೆತಾಕ್ ಆಯೆರಾಕ್.
746) ದಾಕ್ಟ್ಯಾ ಮುಡ್ಯಾ ವರ್ನಿ ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾ ಮುಡ್ಯಾಕ್ ಜಡಾಯ್, ಮಾಂವಾನ್ ಹಾಡ್ಲಾ ಫಡಾತ್ ಹೊರೆತಾಕ್ ಆಯೆರಾಕ್.
747) ಶಿರಾಂಧಾರಿಂಚೊ ಪಾವ್ ವ್ರೊತ್ಲೊ ಗಾಂವಾರ್, ಮಾನಾಚೊ ಆಯೆರ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾನ್ ಕೆಲೊ.
748) ಭಾತಾಚ್ಯಾ ರಾಶಿರ್, ಬಸೊನ್ ಆಸಾ ಕಾವ್ಳೊ, ಮುಂಡಾಸ್‌ಗಾರ್ ಮಾವ್ಳೊ ಆತಾಂ ಆಯೆರ್ ಕರ್ತಾ.
749) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹಿತ್ಲಾಂತ್ ವಾಡ್ಲಾ ಕಾರಾಣೊ, ಆತಾಂ ಆಯೆರ್ ಕರ್ತಾ ಮಾನಾಚೊ ಮಿವ್ಳೊ.
750) ಸಕಾಳಿಂ ಫುಡೆಂ ಧರ್ಣಿರ್ ಪಡ್ಲೊ ದೋವ್, ಆತಾಂ ಆಯೆರ್ ಕರ್ತಾ ಮೊಗಾಚೊ ಭಾವ್.
751) ಏಕ್ ತೊಡ್ವೆಂ ತಾಂದುಳ್, ಬಾಯೆ ವಾಸುಡ್ನ್ ಕಾಡ್‌ಗೊ ಕುಂಡೊ. ತುಜ್ಯಾ ನೊವ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಕುಸ್ತಾರ್, ಬಾಯೆ ಲೊಣಿಯೆಂತ್ ಕಾಗೊ ಉಂಡೊ.

अध्याय ६. विषयावार वापार जांवच्यो वोवियो

वोवियां विषयांत विशलेषण केलें तर आमकां तांतूं आमच्या मालघड्यांच्या जाणवायेची आनी अनबोगाची वळक मेळता. आमचेकडे आसच्यो वोवियोच हाका साक्स. हऱ्येका काऱ्याक, संभ्रमाक, कामाक संबंधीत वोवियो आमकां आयकोंक मेळतात. आदीं आमच्या मालघड्यांक मनोरंजनाक दूसऱ्यो वाटो नातल्ल्यो. देकून गायन तांच्या जिवितांत रंग भर्तालें.

वोवियांचे विशलेषण कर्तासताना, संदर्भाक आनुसार मात्र न्हंय, विवीध विषयांचे वोवियो रचल्ल्यो आमकां पळेवंक मेळतात. काजाराच्या हऱ्येका काऱ्याक संबंधीत वोवियो विषयावयर होंद्दोन ह्या परी वांटून घाल्येत आनी तांतू आटापलेल्या विषयांचे विशलेषण कऱ्येत.

१) भावाडताक लागू जाल्ल्यो वोवियो,
२) होकलेक उद्देसून वोवियो,
३) होरेताक उद्देसून वोवियो,
४) व्हडिलांक उद्देसून वोवियो,
५) बूदबाळ सांगून वोवियो,
६) देवाधीन जाल्ल्यां पासत वोवियो,
७) सयऱ्यां दयऱ्यांक, दायजांक आनी कुटमाचांक उद्देसून वोवियो,
८) धार्मीक व्यक्तिंक उद्देसून वोवियो,
९) तमाशे कर्च्याक वोवियो,
१०) बरें मागच्यो, शुभाशय दिंवच्यो वोवियो,
११) दुखंवच्यो - आक्मान- खोडी काडच्यो वोवियो,
१२) पर्गांवांत आसल्ल्यांपासत वोवियो,
१३) सेजाराविशीं वोवियो
१४) कुटमा जीवनाक वोवियो,
१५) गायिल्ल्यावोवियेक जवाब जावन वोवी (वोवी पंताट),
१६) सामाजीक परिगत कळोंवच्यो वोवियो,
१७) इतिहासांतल्या घडितां विषयांतल्यो वोवियो,
१८) हेर भाशेंचे सब्द वापारल्ल्यो वोवियो,
१९) विकार वोवियो आनी आर्थ नातल्ल्यो वोवियो.
२०) वोवियांनी पोजडेपण
२१) वोवियांच्या सब्द, रूप आनी आर्थांत बदलावण
२२) वोवियांनी सोरो
२३) वोवियांनी संबंध रूपीत सब्धावळ

ಅಧ್ಯಾಯ್ 6. ವಿಷಯಾವಾರ್ ವಾಪಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ

ವೊವಿಯಾಂ ವಿಷ್ಯಾಂತ್ ವಿಶ್ಲೇಷಣ್ ಕೆಲೆಂ ತರ್ ಆಮ್ಕಾಂ ತಾಂತುಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಜಾಣ್ವಾಯೆಚಿ ಆನಿ ಅನ್ಭೋಗಾಚಿ ವಳಕ್ ಮೆಳ್ತಾ. ಆಮ್ಚೆಕಡೆ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ವಿಯೊಚ್ ಹಾಕಾ ಸಾಕ್ಸ್. ಧರ್ಮಿಕಾ ಕಾರ್ಯಾಕ್, ಸಂಭ್ರಮಾಕ್, ಕಾಮಾಕ್ ಂಬಂಧಿತ್ ವೊವಿಯೊ ಆಮ್ಕಾಂ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾತ್. ಆದಿಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಕ್ ಮನೋರಂಜನಾಕ್ ದುಸ್ರ್ಯಾ ವಾಟೊ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ. ದೆಕುನ್ ಗಾಯನ್ ತಾಂಚ್ಯಾ ಜಿವಿತಾಂತ್ ಂಗ್ ಭರ್ತಾಲೆಂ.

ವೊವಿಯಾಂಚೆ ವಿಶ್ಲೇಷಣ್ ಕರ್ತಾಸ್ತಾನಾ, ಸಂದರ್ಭಾಕ್ ಅನುಸಾರ್ ಮಾತ್ರ್ ನ್ಹಂಯ್, ವಿಧ್ ವಿಷಯಾಂಚೆರ್ ವೊವಿಯೊ ರಚ್‌ಲ್ಲ್ಯೊ ಆಮ್ಕಾಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಮೆಳ್ತಾತ್. ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ರ್ಮಿಕಾ ಕಾರ್ಯಾಕ್ ಸಂಬಂಧಿತ್ ವೊವಿಯೊ ವಿಷಯಾವಯ್ರ್ ಹೊಂದ್ರೊನ್ ಹ್ಯಾ ಪರಿ ಾಂಟುನ್ ಘಾಲ್ಯಾತ್ ಆನಿ ತಾಂತು ಆಟಾಪ್ಲೆಲ್ಯಾ ವಿಷಯಾಂಚೆಂ ವಿಶ್ಲೇಷಣ್ ಕರ್ಯೆತ್.

1) ಭಾವಾಡ್ತ್ಯಾಕ್ ಲಾಗು ಜಾಲ್ಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ.
2) ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊವಿಯೊ.
3) ಹೊರೆತಾಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊವಿಯೊ.
4) ವ್ಹಡಿಲಾಂಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊವಿಯೊ.
5) ಬೂದ್‌ಬಾಳ್ ಸಾಂಗುನ್ ವೊವಿಯೊ.
6) ದೆವಾಧಿನ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾಂ ಪಾಸತ್ ವೊವಿಯೊ.
7) ಸಯ್ರ್ಯಾಂ ದಯ್ರ್ಯಾಂಕ್, ದಾಯ್ಜಾಂಕ್ ಆನಿ ಕುಟ್ಮಾಚಾಂಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊವಿಯೊ.
8) ಧಾರ್ಮಿಕ್ ವ್ಯಕ್ತಿಂಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊವಿಯೊ.
9) ತಮಾಶೆ ಕರ್ಚ್ಯಾಕ್ ವೊವಿಯೊ.
10) ಬರೆಂ ಮಾಗ್ಚ್ಯಾ, ಶುಭಾಶಯ್ ದಿಂವ್ಚ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ.
11) ಮುಖಿಂವ್ಚ್ಯಾ - ಆಕ್ಮಾನ್- ಖೊಡಿ ಕಾಡ್ಚ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ.
12) ಪರ್ಗಾಂವಾಂತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂಪಾಸತ್ ವೊವಿಯೊ.
13) ಸೆಜಾರಾವಿಶಿಂ ವೊವಿಯೊ
14) ಕುಟ್ಮಾ ಜೀವನಾಕ್ ವೊವಿಯೊ.
15) ಗಾಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೆಕ್ ಜವಾಬ್ ಜಾವ್ನ್ ವೊವಿ (ವೊವಿ ಪಂತಾಟ್).
16) ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಪರಿಗತ್ ಕಳೊಂವ್ಚ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ.
17) ಇತಿಹಾಸಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಘಡಿತಾಂ ವಿಷ್ಯಾಂತ್ಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ.
18) ಹೆರ್ ಭಾಶೆಂಚೆ ಸಬ್ದ್ ವಾಪಾರ್‌ಲ್ಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ.
19) ವಿಕಾರ್ ವೊವಿಯೊ ಆನಿ ಅರ್ಥ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ.
20) ವೊವಿಯಾಂನಿ ವೊಜ್ಞೆಪಣ್
21) ವೊವಿಯಾಂಚ್ಯಾ ಸಬ್ದ್, ರೂಪ್ ಆನಿ ಅರ್ಥಾಂತ್ ಬದ್ಲಾವಣ್
22) ವೊವಿಯಾಂನಿ ಸೊರೊ
23) ವೊವಿಯಾಂನಿ ಸಂಬಂಧ್ ರೂಪಿತ್ ಸಬ್ಧಾವಳ್

६.१ भावाडताक लागू जाल्ल्यो वोवियो

ह्या वोवियांनी भावाडताक लग्ती जाल्ल्यो संग्ती आटापून आसात. ह्या सकयल्या वोवियांनी देव, जेजू, पवित्र आत्मो, त्रिंदाद, मरिमाय, पवित्र सभा, साक्रामेंत आनी सांत भक्तांचो उल्लेक आसल्लो पळव्येत. देकीक, थोड्यो वोवियो हांगा सकयल आसात.

- पेट कर्च्या येज्मानी काड सांताखुर्साची खुरू, समेसत पर्जेक पावोन पेटी आधीक ऊर.
- रोजारी माये पांयांक तुज्या पांयजणां, साट तिनशीं आयदानां ह्यायी पेटिलागीं.
- हाड्या निसण, काड्यांमी मुडे, सां. जुजे बाप येता फुडें पेटीक बेसांव दीवंक.
- देवा बापा, देवा पुत्रा, देवा स्पिरीत सांता, कुर्पेच्या दिसा येज्मान आदान दवर्ता.
- कानी घालें तेल कपोलीं काडलो खुरीस वयकुंटिंचो जेजु क्रीसत व्हरेताक बेसांव दीत.
- तेलाचो खुरीस होकले कपलार सोभता, कुळाराचो उडास केदिंच विस्रोनाका.
- बारा पुर्सां बांयक तेरा पुर्सां राजू, खुर्सा सयत जेजू, रोसाक बेसांव दीत.
- बेसांव मागोन, होकाल बसल्या बांका, दीषट लावन सर्गा जेजू मरियेचेर.
- भांगाराची मुदी सोनारान वारयली, सयरीक बरयली सर्गिंच्या देवाबापान.
- भाजल्ली मासळी शिमटेन कर्पाली, खुरीस सर्पळी व्हकले तुजें आयापण.
- रेस्पेराचो भेस बांदला एक्ये दोरिये, बेसांव दीगे माये सर्गिंचे विर्जा मऱ्ये.
- जेजू–माय येता सामक्या दार्वाट्यान, साडोच हाडला कोणाक सांगोन, रज मार्गोन आमचा जेजुलागीं.
- साडो हाडून दवरिला बोशिये, जेजुचे खुशिये येज्मान साडो भर्ता.
- साडो हाडून दवरिला ह्या बांकार, बेसांव दी ताका सर्गिंच्या देवा.
- दिंबी आमी घालुयां, खुर्साची कुरू काडुयां, कुर्पा आमी मागुयां, आमचा जेजुलागीं.
- येज्मान पिड्डूक बांदता देवा बापाक समर्पून, ताचेनावीं घेगे होकले आयापण.
- रोसाळ नारल कांत्ताना कार्वो, स्पिरीत सांत पार्वो तुज्ये सर्पोळेर.
- येज्मान्या राया कितें तुजें चीत, हाच्याकी वर्तें सांत आंतोन बाप दीत.

६.२ होकलेक उद्देसून वोवियो

चडीत वोवियो होकलेचे गूण, शेगूण, सोभाय, बुद्वंत्काय, चुरुकाय, वसतूर, भांगार आनी शृंगार वर्णन कर्न घडल्ल्यो आमकां पळेवंक मेळतात. ह्या वोवियां मुकांत्र कळोन येताकी धनात्मक आनी सकारात्मक प्रोत्साहावर्वीं काजार जांवच्या होकलेक आपल्या भेसाची आनी जवाब्दारेची परिचय जाता आनी तांचें जीवन कषटा आकांतावेळा, समस्ये आडकळेवेळा, धनात्मक थरान संग्ती स्वीकार करुंक सहकार जाता. देकीक, थोड्यो वोवियो हांगा सकयल आसात.

- आमचा वाळणेक काडल्या कलय, चंद्रेमाची सोबाय, आमची व्हकाल बाय.
- आमचा वोडतांत फुलां पर्मळतीत, वज्रां थळताळतीत तुज्या मिनिनार.
- आमच्या घरा मुकार रसबाळ्या केळ्यांचें बोंड, रशीम तोंड आमच्ये होकलेचें.

ಭಾವಾಡ್ತಾಕ್ ಲಾಗು ಜಾಲ್ಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ

ಹ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂನಿ ಭಾವಾಡ್ತಾಕ್ ಲಗ್ತಿ ಜಾಲ್ಲ್ಯೊ ಸಂಗ್ತಿ ಆಟಾಪ್ತುನ್ ಆಸಾತ್. ಹ್ಯಾ ಯ್ಸಾಳ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂನಿ ದೇವ್, ಜೆಜು, ಪವಿತ್ರ್ ಆತ್ಮೊ, ತ್ರಿಂದಾದ್, ಮರಿಮಾಯ್, ತ್ ಸಭಾ, ಸಾಕ್ರಾಮೆಂತ್ ಆನಿ ಸಾಂತ್ ಭಕ್ತಾಂಚೊ ಉಲ್ಲೇಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ಪಳವ್ಯೆತ್. ಕ್. ಥೊಡ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಹಾಂಗಾ ಸಕಯ್ಲ್ ಆಸಾತ್.

- ಪೇಟ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಕಾಡ್ ಸಾಂತಾಖುರ್ಸಾಚಿ ಖುರು, ಸಮೆಸ್ತ್ ಪರ್ಜೆಕ್ ಪಾವೊನ್ ಪೆಟಿ ಆಧಿಕ್ ಊರ್.
- ರೊಜಾರಿ ಮಾಯೆ ಪಾಂಯಾಂಕ್ ತುಜ್ಯಾ ಪಾಂಯ್ಜಣಾಂ, ಸಾಟ್ ತಿಸ್ಕಿಂ ಆಯ್ದಾನಾಂ ಹ್ಯಾಯಿ ಪೆಟಿಲಾಗಿಂ.
- ಹಾಡ್ಯಾ ನಿಸಣ್, ಕಾಡ್ಯಾಂಮಿ ಮುಡೆ, ಸಾಂ. ಜುಜೆ ಬಾಪ್ ಯೆತಾ ಫುಡೆಂ ಪೆಟಿಕ್ ಬೆಸಾಂವ್ ದೀಂವ್ಕ್.
- ದೆವಾ ಬಾಪಾ, ದೆವಾ ಪುತ್ರಾ, ದೆವಾ ಸ್ಪಿರಿತ್ ಸಾಂತಾ, ಕುರ್ಪೆಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಆದಾನ್ ದವರ್ತಾ.
- ಕಾನಿ ಘಾಲೆಂ ತೆಲ್ ಕಪ್ರೊಲಿಂ ಕಾಡ್ಲೊ ಖುರಿಸ್ ವಯ್ಯುಂಟೆಂಚೊ ಜೆಜು ಕ್ರೀಸ್ತ್ ವ್ಹರೆತಾಕ್ ಬೆಸಾಂವ್ ದೀತ್.
- ತೆಲಾಚೊ ಖುರಿಸ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಕಪಲಾರ್ ಸೊಭ್ತಾ, ಕುಳಾರಾಚೊ ಉಡಾಸ್ ಕೆದಿಂಚ್ ವಿಸ್ರೊನಾಕಾ.
- ಬಾರಾ ಪುರ್ಸಾಂ ಬಾಂಯ್ಕ್ ತೆರಾ ಪುರ್ಸಾಂ ರಾಜು, ಖುರ್ಸಾ ಸಯ್ತ್ ಜೆಜು, ರೊಸಾಕ್ ಬೆಸಾಂವ್ ದೀತ್.
- ಬೆಸಾಂವ್ ಮಾಗೊನ್, ಹೊಕಾಲ್ ಬಸ್ಲ್ಯಾ ಬಾಂಕಾ, ದೀಷ್ಟ್ ಲಾವ್ನ್ ಸರ್ಗಾ ಜೆಜು ಮರಿಯೆಚೆರ್.
- ಭಾಂಗಾರಾಚಿ ಮುದಿ ಸೊನಾರಾನ್ ವಾರಯ್ಲಿ, ಸಯ್ರಿಕ್ ಬರಯ್ಲಿ ಸರ್ಗಿಂಚ್ಯಾ ದೆವಾಬಾಪಾನ್.
- ಭಾಜ್‌ಲ್ಲಿ ಮಾಸ್ಳಿ ಶಿಮ್ಟೆನ್ ಕರ್ಪಾಲಿ, ಖುರಿಸ್ ಸರ್ಪಳಿ ವ್ಹಕ್ಲ ತುಜೆಂ ಆಯಾಪಣ್.
- ರೆಸ್ಪಿರಾಚೊ ಭೆಸ್ ಬಾಂದ್ಲಾ ಎಕ್ಯೆ ದೊರಿಯೆ, ಬೆಸಾಂವ್ ದೀಗೆ ಮಾಯೆ ಸರ್ಗಿಂಚೆ ವಿರ್ಜಾ ಮರ್ಯೆ.
- ಜೆಜು-ಮಾಯ್ ಯೆತಾ ಸಾಮ್ಕ್ಯಾ, ದಾರ್ವಾಟ್ಯಾನ್, ಸಾಡೊಚ್ ಹಾಡ್ಲಾ ಕೊಣಾಕ್ ಸಾಂಗೊನ್, ರಜಾ ಮಾಗೊನ್ ಆಮ್ಚಾ ಜೆಜುಲಾಗಿಂ.
- ಸಾಡೊ ಹಾಡುನ್ ದವರಿಲಾ ಬೊಶಿಯೆ, ಜೆಜುಚೆ ಖುಶಿಯೆ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಸಾಡೊ ಭರ್ತಾ.
- ಸಾಡೊ ಹಾಡುನ್ ದವರಿಲಾ ಹ್ಯಾ ಬಾಂಕಾರ್, ಬೆಸಾಂವ್ ದೀ ತಾಕಾ ಸರ್ಗಿಂಚ್ಯಾ ದೆವಾ.
- ದಿಂಬಿ ಆಮಿ ಘಾಲುಯಾಂ, ಖುರ್ಸಾಚಿ ಕುರು ಕಾಡುಯಾಂ, ಕುರ್ಪಾ ಆಮಿ ಮಾಗುಯಾಂ, ಆಮ್ಚಾ ಜೆಜುಲಾಗಿಂ.
- ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಪಿಡ್ಡುಕ್ ಬಾಂದ್ತಾ ದೆವಾ ಬಾಪಾಕ್ ಸಮರ್ಪುನ್, ತಾಚೆನಾವಿಂ ಘೆಗೆ ಹೊಕ್ಲೆ ಆಯಾಪಣ್.
- ರೊಸಾಳ್ ನಾಲ್‌ರ್ ಕಾಂತ್ತಾನಾ ಕಾರ್ಪ್ರೊ, ಸ್ಪಿರಿತ್ ಸಾಂತ್ ಪಾರ್ಪ್ರೊ ತುಜ್ಯೆ ಸರ್ಪ್ರೊಳೆರ್.
- ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾ ರಾಯಾ ಕಿತೆಂ ತುಜೆಂ ಚೇತ್, ಹಾಬ್ಯಾಕೀ ವರ್ತೆಂ ಸಾಂತ್ ಆಂತೊನ್ ಬಾಪ್ ದೀತ್.

6.2 ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊವಿಯೊ

ಚಡಿತ್ ವೊವಿಯೊ ಹೊಕ್ಲೆಚೆ ಗೂಣ್, ಶೆಗುಣ್, ಸೊಭಾಯ್, ಬುದ್ವಂತ್ಕಾಯ್, ಚುರುಕಾಯ್, ವಸ್ತುರ್, ಭಾಂಗಾರ್ ಆನಿ ಶೃಂಗಾರ್ ವರ್ಣನ್ ಕರ್ನ್ ಘಡ್‌ಲ್ಲ್ಯೊ ಆಮ್ಕಾಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಮೆಳ್ತಾತ್. ಹ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಕಳೊನ್ ಯೆತಾಕೀ ಧನಾತ್ಮಕ್ ಆನಿ ಸಕಾರಾತ್ಮಕ್ ಪ್ರೋತ್ಸಾಹಾವರ್ವಿಂ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಭೆಸಾಚಿ ಆನಿ ಜವಾಬ್ದಾರೆಚಿ ಪರಿಚಯ್ ಜಾತಾ ಆನಿ ತಾಂಚೆಂ ಜೀವನ್ ಕಷ್ಟಾ ಆಕಾಂತಾವೆಳಾ, ಸಮಸ್ಯೆ ಆಡ್ವಳೆವೆಳಾ, ಧನಾತ್ಮಕ್ ಥರಾನ್ ಸಂಗ್ತಿ ಸ್ವೀಕಾರ್ ಕರುಂಕ್ ಸಹಕಾರ್ ಜಾತಾ. ದೆಕಿಕ್, ಥೊಡ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಹಾಂಗಾ ಸಕಯ್ಲ್ ಆಸಾತ್.

- ಆಮ್ಚಾ ವಾಳ್ಳೆ ಕಾಡ್ಲ್ಯಾ ಕಲಯ್, ಚಂದ್ರಿಮಾಚಿ ಸೊಬಾಯ್, ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಾಲ್ ಬಾಯ್.
- ಆಮ್ಚಾ ವ್ರೊಡ್ತಾಂತ್ ಫುಲಾಂ ಪರ್ಮಳ್ತಿತ್, ವಜ್ರಾಂ ಥಳ್ಕಾತ್ತಿತ್ ತುಜ್ಯಾ ಮಿನಿಸಾರ್.
- ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಕಾರ್ ರಸ್ತ್ಯಾಳ್ಯಾ ಕೆಳ್ಯಾಂಚೆಂ ಬೊಂಡ್, ರಶಿಮ್ ತೊಂಡ್ ಆಮ್ಚ್ಯೆ ಹೊಕ್ಲೆಚೆಂ.

- आमच्या घरा मुखार केंळब्यान घालां बोंड, उदकावर्नी थंड आमच्यी व्हकालबाय.
- आकाशीं ताळवें फुल्लें पोपाळ, मन मोवाळ आमच्या व्हकलेचें.
- आदाळ्ळेलें बोट लागल्लें पाळाक, कोडियाळचें साळक आमची होकाल बाय.
- आदाळ्ळेलें बोट उसाळ्ळेली कात, बेंजाराची वात आमची होकाल बाय.
- बोकडी आमची धवी, गाय आमची कोबली, साङ्यार आतां सोभली आमची व्हकाल बाय.
- व्हरेतारे बाबा, बोल्सांत तुज्या बादाम, साङ्यार दिसता मदाम आमची व्हकाल बाय.
- गोंयां वेच्ये वाटे कणेरिचें पीक, मुदिये वयलें थीक आमची होकाल बाय.
- दोवा वर्नी धवी, चंद्रा वर्नी तांबडी, एका नेकेत्रा सांगडी, आमची होकाल बाय.
- धव्या कापडाक रस्माची बारीक देग, रूपान माणीक आमची व्हकालबाय.
- हाडांक मारुंक कोयतो, मासाक घालुंक सिर्को, शेगुणांनी वर्ती आमची होकाल बाय.

६.३ होरेताक उद्देसून वोवियो

सबार वोवियो होरेताचे गूण, शेगूण, कुडिची कालेत, सोभाय, बुद्वंत्काय आनी आर्थीक स्थिती वर्णन कर्न घडल्ल्यो आमकां पळेवंक मेळतात. ह्या वोवियां मुकांत्र कळोन येताकी धनात्मक आनी सकारात्मक प्रोत्साहाववीं काजार जांवच्या होरेताक आपल्या भेसाची आनी जवाब्दारेची परिचय जाता आनी तांचें जीवन कषटा आकांतावेळा समस्ये आडकळेवेळा, धनात्मक थरान संगती स्वीकार करुंक सहकार जाता. देकीक थोड्यो वोवियो हांगा सकयल आसात.

- गोंयचो गोंयकार, भुंयचो भुंयकार कुवैटचो सावकार आमचो व्हरेत बाब.
- शेजारा इषटाक आजच जाला चेर्को, आंगान बळवंत सार्को आमचो व्हरेत बाब.
- वालिचे तुद्येर फुल्लें वोवाळ, उत्रान मोवाळ आमचो व्हरेत बाब.
- मूग फोडन मुगाची केली दाळ, कुटमाक मोगाळ आमचो व्हरेत बाब.
- वाड्यांतले मानेसत आयल्यात हांगा समेसत, पळेवंक दिसता रुपेसत आमचो व्हरेत बाब.
- वोडतांतल्या झाडाताळवेर फुल्ला बोंगो, अपुरबायेचो गोंडो आमचो व्हरेतबाब.
- आपरोसाचे वाटलेक भांगाराचो भोंवर, तालेंताचो कुंवर आमचो व्हरेतबाब.
- आंजेलबाये हितलांत चरोन आसा गाय, आंजेलोर्चो राय आमचो होरेत बाब.
- आमगेल्या माडार आसा एक खुबो, घट मूट उबो आमचो व्हरेत बाब.
- उर्वा मयदानार जमो पिश्यांचो, केंच्या मिश्यांचो आमचो व्हरेत बाब.
- कोंबियेन काडलीं पिलां उरलो एक कोंबलो, बोंबय बांदला बंगलो आमचा व्हरेतान.
- तेणे कोण येता तांबड्या कोबायेचो, भुर्ग्या सोबायेचो आमचो व्हरेत बाब.
- धवो घोडो बांडिलो सुंर्गी, रूपान फिंर्गी आमचो व्हरेत बाब.

६.४ व्हडिलांक उद्देसून वोवियो

वोवियांनी काजार जांवचा होकले नवऱ्याच्या आवय बापयक ऊंचलें स्थान मान आनी गौरव दिल्लो दिसोन येता. ह्या वर्गाच्या वोवियांनी व्हडिलांची जवाब्दारी, तांणी काडल्ली मिनत, तांची खंत बेजाराय, गूण शेगूण वर्णन केल्यात. दाकल्याक,

- ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಖಾರ್ ಕೆಂಳ್ಯಾನ್ ಘಾಲಾಂ ಬೊಂಡ್, ಉದ್ಕಾವರ್ನಿ ಥಂಡ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹಾಲ್‌ಬಾಯ್.
- ಆಕಾಶಿಂ ತಾಳ್ವೆಂ ಘುಲ್ಲೆಂ ಪೊಪಾಳ್, ಮನ್ ಮೊವಾಳ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹಾಲ್‌ಲೆಚೆಂ.
- ಆದಾಳ್ಳೆಲೆಂ ಬೊಟ್ ಲಾಗ್‌ಲ್ಲೆಂ ಪಾಳಾಕ್, ಕೊಡಿಯಾಳ್ಚೆಂ ಸಾಳಕ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
- ಆದಾಳ್ಳೆಲೆಂ ಬೊಟ್ ಉಸಾಳ್ಳೆಲಿ ಕಾತ್, ಬೆಂಜಾರಾಚೆ ವಾತ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
- ಬೊಕ್ತ ಆಮ್ಚಿ ಧವಿ, ಗಾಯ್ ಆಮ್ಚಿ ಕೊಬ್ಲಿ ಸಾಡ್ಯಾರ್ ಆತಾಂ ಸೊಬ್ಲಿ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಾಲ್ ಬಾಯ್.
- ವ್ಹರೆತಾರ ಬಾಬಾ, ಬೊಲ್ಸಾಂತ್ ತುಜ್ಯಾ ಬಾದಾಮ್, ಸಾಡ್ಯಾರ್ ದಿಸ್ತಾ ಮದಾಮ್ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಾಲ್ ಬಾಯ್.
- ಗೊಂಯಾಂ ವೆಚ್ಯೆ ವಾಟೇ ಕಣೆರಿಚೆಂ ಪಿಕ್, ಮುದಿಯೆ ವಯ್ಲೆಂ ಥಿಕ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
- ದೊವಾ ವರ್ನಿ ಧವಿ, ಚಂದ್ರಾ ವರ್ನಿ ತಾಂಬ್ಡಿ, ಎಕಾ ನೆಕೆತ್ರಾ ಸಾಂಗ್ಡಿ, ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
- ಧುವ್ಯಾ ಕಾಪ್ಡಾಕ್ ರಸ್ಮಾಚೆ ಬಾರಿಕ್ ದೇಗ್, ರುಪಾನ್ ಮಾಣಿಕ್ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಾಲ್‌ಬಾಯ್.
- ಹಾಡಾಂಕ್ ಮಾರುಂಕ್ ಕೊಯ್ತೊ ಮಾಸಾಕ್ ಘಾಲುಂಕ್ ಸಿರ್ಕೊ, ಶೆಗುಣಾಂನಿ ವರ್ತಿ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.

6.3 ಹೊರೆತಾಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊವಿಯೊ

ಸಬಾರ್ ವೊವಿಯೊ ಹೊರೆತಾಚೆ ಗುಣ್, ಶೆಗುಣ್, ಕುಡಿಚಿ ಕಾಲೆತ್, ಸೊಭಾಯ್, ಬುದ್ವಂತ್ಕಾಯ್ ಆನಿ ಆರ್ಥಿಕ್ ಸ್ಥಿತಿ ವರ್ಣನ್ ಕರ್ನ್ ಘಡ್‌ಲ್ಯೊತ್ರ ಆಮ್ಕಾಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಮೆಳ್ತಾತ್. ಹ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಕಳೊನ್ ಯೆತಾಕೀ ಧನಾತ್ಮಕ್ ಆನಿ ಸಕಾರಾತ್ಮಕ್ ಪ್ರೋತ್ಸಾಹಾವರ್ವಿಂ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾತ್ರ ಹೊರೆತಾಕ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾತ್ರ ಭೆಸಾಚಿ ಆನಿ ಜವಾಬ್ದಾರೆಚಿ ಪರಿಚಯ್ ಜಾತಾ ಆನಿ ತಾಂಚೆಂ ಜೀವನ್ ಕಷ್ಟಾ ಆಕಾಂತಾವೆಳಾ, ಸಮಸ್ಯೆ ಆಡ್ಕಳೆವೆಳಾ, ಧನಾತ್ಮಕ್ ಥರಾನ್ ಸಂಗ್ತಿ ಸ್ವೀಕಾರ್ ಕರುಂಕ್ ಸಹಕಾರ್ ಜಾತಾ. ದೆಕಿಕ್, ಥೊಡ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಹಾಂಗಾ ಸಕಯ್ಲ್ ಆಸಾತ್.

- ಗೊಂಯ್ಚೊ ಗೊಂಯ್ಕಾರ್, ಭುಂಯ್ಚೊ ಭುಂಯ್ಕಾರ್ ಕುವ್ಯೆಟ್ಚೊ ಸಾವ್ಕಾರ್ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
- ಶೆಜಾರಾ ಇಷ್ಟಾಕ್ ಆಜ್‌ಚ್ ಜಾಲಾ ಚೆರ್ಕೊ, ಆಂಗಾನ್ ಬಳ್ವಂತ್ ಸಾರ್ಕೊ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
- ವಾಲಿಚೆ ತುದ್ಯೆರ್ ಫುಲ್ಲೆಂ ವೊವಾಳ್, ಉತ್ರಾನ್ ಮೊವಾಳ್ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
- ಮೂಗ್ ಫೊಡ್ನ್ ಮುಗಾಚಿ ಕೆಲಿ ದಾಳ್, ಕುಟ್ಮಾಕ್ ಮೊಗಾಳ್ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
- ವಾಡ್ಯಾಂತ್ಲೆ ಮಾನೆಸ್ತ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾತ್ ಹಾಂಗಾ ಸಮೆಸ್ತ್, ಪಳೆಂವ್ಕ್ ದಿಸ್ತಾ ರುಪೆಸ್ತ್ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
- ವೊಡ್ತಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಝಾಡಾತಾಳ್ವೆರ್ ಫುಲ್ಲಾ ಬೊಂಗೊ, ಅಪ್ರುಬಾಯೆಚೊ ಗೊಂಡೊ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್‌ಬಾಬ್.
- ಆಪ್ರೊಸಾಚೆ ವಾಟ್ಯೆರ್ ಭಾಂಗಾರಾಚೊ ಘೊಂವರ್, ತಾಲೆಂತಾಚೊ ಕುಂವರ್ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್‌ಬಾಬ್.
- ಆಂಜೆಲ್‌ಬಾಯೆ ಕಿತ್ಲಾಂತ್ ಚರೊನ್ ಆಸಾ ಗಾಯ್, ಆಂಜೆಲೊರ್ಚೊ ರಾಯ್ ಆಮ್ಚೊ ಹೊರೆತ್ ಬಾಬ್.
- ಆಮ್ಗೆಲ್ಯಾ ಮಾಡಾರ್ ಆಸಾ ಏಕ್ ಖುಬೊ, ಘಟ್ ಮುಟ್ ಉಬೊ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
- ಉರ್ವಾ ಮಯ್ದಾನಾರ್ ಜಮೊ ಪಿಶ್ಯಾಂಚೊ, ಕೆಂಬ್ಯಾ ಮಿಶ್ಯಾಂಚೊ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
- ಕೊಂಬಿಯೆನ್ ಕಾಡ್ಲಿಂ ಪಿಲಾಂ ಉರ್ಲೊ ಏಕ್ ಕೊಂಬ್ಲೊ, ಬೊಂಬಯ್ ಬಾಂದ್ಲಾ ಬಂಗ್ಲೊ ಆಮ್ಚಾ ವ್ಹರೆತಾನ್.
- ತೆಣೆ ಕೊಣ್ ಯೆತಾ ತಾಂಬ್ಡ್ಯಾ ಕೊಬಾಯೆಚೊ, ಘುರ್ಗ್ಯಾ ಸೊಬಾಯೆಚೊ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
- ಧವ್ರೊ ಘೊಡೊ ಬಾಂದಿಲೊ ಸುಂಗ್ರಿ, ರುಪಾನ್ ಫಿಂಗ್ರಿ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.

6.4 ವ್ಹಡಿಲಾಂಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊವಿಯೊ

ವೊವಿಯಾಂನಿ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆ ನವ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಆವಯ್ ಬಾಪಯ್ಕ್ ಊಂಚ್ಲೆಂ ಸ್ಥಾನ್ ಮಾನ್ ಆನಿ ಗೌರವ್ ದಿಲ್ಲೊ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾ. ಹ್ಯಾ ವರ್ಗಾಚ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂನಿ ವ್ಹಡಿಲಾಂಚಿ ಜವಾಬ್ದಾರಿ, ತಾಂಣಿ ಕಾಡ್‌ಲ್ಲಿ ಮೆಹನತ್, ತಾಂಚಿ ಖಂತ್ ಬೆಜಾರಾಯ್, ಗೂಣ್ ಶೆಗುಣ್ ವರ್ಣನ್ ಕೆಲ್ಯಾತ್. ದಾಕ್ಲ್ಯಾರ್,

- बापायन वागयलें तुका कानिंगी केसीं, आवयन वागयलें तुका उंडियां घासीं.
- भारीक रेंव कागदार वोरयली, वाट झरयली व्हकले बापायन तुज्या.
- पावसच्च येवून उदाक जालें व्हाळा, कषटांत पडलो बाळा बापय तुजो.
- भितर घाल्ली मांद्री भायर वोडिनाका, काजार जालाय देकून व्हडिलांक केंडिनाका.
- माडाचो खुबो नारलांनी सोभता, मोगाची आवय होकलेक रोस लायता.
- व्हकलेगे बाये गळ्यांत तुज्या बेंतीण, आवय भरल्या खंतीन धुवेक काजार म्हण.
- रोसाचा माटवांत सयरीं धाराळ, मन मोवाळ होकले बापायिचें.
- ह्यावी काजाराक कितें जाला नषट, भोव जाले कषट होकले बापायक तुज्या.
- कितें उलयल्यारी मनांत तिणें सोसलां, पुताबरी पोसलां, होकले आवयन तुज्या.
- धांवच्या घोड्याक भांदिला पाळा, भियेनाका बाळा म्हणता आवय तुजी.
- बापय रोस लायता, मनांत कितें चिंता, बरेंपण माग्ता, तुज्या काजाराक.

६.५ बूदबाळ सांगून वोवियो

आयच्या काळार काजार जाताल्या चल्या चलियेक जायती जाण्वाय, समजोणी आसता. आनी कड्डायेची काजारी शिकवण कुटमा जिणिये केंद्रा थावन, फिर्गज याजक, धार्मीक आनी लायीक मुकेल्यां थावन लाभता. काजारी जिणियेविशीं जायती माहेत तर्न्यां जोड्यांक तांच्या शिक्षणा थावन, माध्यमां आनी अंतर्जाळा मुकांत्र पयलीच लाभोन आसता.

पूण आदल्या काळार आतांच्या बरी शिक्षण आनी तरबेती दिंवचीं माध्यमा आनी विधानां लोकाक नातल्लीं. इगर्जो लागसार नातल्ल्यो. इसकोलां पळेवंक अपरूप आसल्लीं. ह्या परिस्थितेंत विवीध प्रदेशांनी शिंपडलले क्रिसतांव लोक तांचें आत्मीक कायदे पाळच्याखातीर आनी धार्मीक शिकवण जोडच्याखातीर मैलांगटल्यान चलोन इगर्जीक वेतालो. इसकोल शिकचें भाग भोव थोड्यांक मात्र फावो जातालें.

हे परिगतिंत काजार जांवच्या होकले नोवऱ्याक रोसाचो आनी काजाराचो दीस जावंक पावतालो तांच्या लग्ना जिणियेक बूदबाळ सांगोंक, होंद्वोन जियेवंक, गौरव दीवंक, कुटमा जिणी सांबाळुंक, मालघड्यांक मान दीवंक, भुर्ग्याबाळांक देकीन पोसुंक, कुळाराचो गौरव दवरुंक, आवय बापयचो उडास दवरुंक, भावाडताचीं सतां शिकंवच्या खातीर. हें शिक्षण सकयल्या वोवियां मुकांत्र लाभतालें.

- बोकऱ्याच्या मासाक रोसाचे पोळे, बापायन केल्लो उपकार सदां चिंतून पळे.
- सकाळीं उटताना होकले कुळाराचीं चिंतां, आवय बापायचो मोग उरों काळजांत सदां.
- दिसाक पडलें वोत रातीक पडलो दोव, पोळी कर्न दी मोव होकले मांवाक तुज्या.
- पान पोड खावन उडयलें पीक, नेणां आसल्ले काम मांयकडेन शीक.
- मिलावाच्या कोयतुलाक चिंचेचें थोरूं, मांय जीवन तारूं व्हकले सांबाळन व्हर.
- वोडतांतलें झड कोयतेन बेंडिनाका, उत्रांनी व्हकले मांयक खेंडिनाका.

- ಬಾಪಾಯ್ನ್ ವಾಗಯ್ಲ್ಲಿಂ ತುಕಾ ಕಾನಿಂಗೀ ಕೆಸಿಂ, ಆವಯ್ನ್ ವಾಗಯ್ಲ್ಲಿಂ ತುಕಾ ಉಂಡಿಯಾಂ ಫಾಸಿಂ.
  ಭಾರಿಕ್ ರೇಂವ್ ಕಾಗ್ಟಾರ್ ವ್ರೊರಯ್ಲ್ಲಿ, ವಾಟ್ ಝುರಯ್ಲ್ಲಿ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ.
- ಪಾವ್ಸ್ಟ್ ಯೆವ್ನ್ ಉದಾಕ್ ಜಾಲೆಂ ವ್ಹಾಳಾ, ಕಷ್ಟಾಂತ್ ಪಡ್ಲೊ ಬಾಳಾ ಬಾಪಯ್ ತುಜೊ.
- ಭಿತರ್ ಘಾಲ್ಲಿ ಮಾಂದ್ರಿ ಭಾಯ್ರ್ ವ್ರೊಡಿನಾಕಾ, ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲಾಯ್ ದೆಕುನ್ ವ್ಹಡಿಲಾಂಕ್ ಕೆಂಡಿನಾಕಾ.
- ಮಾಡಾಚೊ ಖುಬೊ ನಾರ್ಲಾಂನಿ ಸೊಭ್ತಾ, ಮೊಗಾಚಿ ಆವಯ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ರೋಸ್ ಲಾಯ್ತಾ.
- ವ್ಹಕ್ಲೆಗೆ ಬಾಯೆ ಗಳ್ಯಾಂತ್ ತುಜ್ಯಾ ಬೆಂತಿಣ್, ಆವಯ್ ಭಲ್ಯಾ ಖಂತಿನ್ ಧುವೆಕ್ ಕಾಜಾರ್ ಮ್ಹಣ್.
- ರೊಸಾಚಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಸಯ್ರಿಂ ಧಾರಾಳ್, ಮನ್ ಮೊವಾಳ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಬಾಪಾಯಿಚೆಂ.
- ಹ್ಯಾವಿ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಕಿತೆಂ ಜಾಲಾ ನಷ್ಟ್, ಘೋವ್ ಜಾಲೆ ಕಷ್ಟ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
- ಕಿತೆಂ ಉಲಯ್ಲ್ಯಾರೀ ಮನಾಂತ್ ತಿಸೆಂ ಸೊಸ್ಲಾಂ, ಪ್ರತಾಬರಿ ಪ್ರೊಸ್ಲಾಂ, ಹೊಕ್ಲೆ ಆವಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ.
- ಧಾಂವ್ಲ್ಯಾ ಘೊಡ್ಯಾಕ್ ಭಾಂದಿಲಾ ಪಾಳಾ, ಭಿಯೆನಾಕಾ ಬಾಳಾ ಮ್ಹಣ್ತಾ ಆವಯ್ ತುಜಿ.
- ಬಾಪಯ್ ರೊಸ್ ಲಾಯ್ತಾ ಮನಾಂತ್ ಕಿತೆಂ ಚಿಂತಾ, ಬರೆಂಪಣ್ ಮಾಗ್ತಾ ತುಜ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್.

6.5 ಬೂದ್‌ಬಾಳ್ ಸಾಂಗುನ್ ವೊವಿಯೊ

ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಕಾಜಾರ್ ಜಾತಾಲ್ಯಾ ಚೆಲ್ಯಾ ಚೆಲಿಯೆಕ್ ಜಾಯ್ತಿ ಜಾಣ್ವಾಯ್ ಸಮ್ಜೊಣಿ ಆಸ್ತಾ. ಆನಿ ಕಡ್ಡಾಯೆಚಿ ಕಾಜಾರಿ ಶಿಕವ್ಣ್ ಕುಟ್ಮಾ ಜಿಣೆಯೆ ಕೇಂದ್ರಾ ಥಾವ್ನ್, ಫಿರ್ಗಜ್ ಯಾಜಕ್, ಧಾರ್ಮಿಕ್ ಆನಿ ಲಾಯಿಕ್ ಮುಕೆಲ್ಯಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಲಾಭ್ತಾ. ಕಾಜಾರಿ ಜಿಣೆಯೆವಿಶಿಂ ಜಾಯ್ತಿ ಮಾಹೆತ್ ತರ್ನಾಟ್ಯಾಂ ಜೊಡ್ಯಾಂಕ್ ತಾಂಚ್ಯಾ ಶಿಕ್ಷಣಾ ಥಾವ್ನ್, ಮಾಧ್ಯಮಾಂ ಆನಿ ಅಂತರ್ಜಾಳಾ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಪುಸ್ಟಿಚ್ ಲಾಭೊನ್ ಆಸ್ತಾ.

ಪುಣ್ ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಅಶಾಂಚ್ಯಾ ಬರಿ ಶಿಕ್ಷಣ್ ಆನಿ ತರ್ಬೆತಿ ದಿಂವ್ಚಿಂ ಮಾಧ್ಯಮಾ ಆನಿ ವಿಧಾನಾಂ ಲೋಕಾಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿಂ. ಇಗರ್ಜೊ ಲಾಗ್ಸಾರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಯೊ, ಇಸ್ಕೊಲಾಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಅಪ್ರೂಪ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿಂ. ಹ್ಯಾ ಪರಿಸ್ಥಿತೆಂತ್ ವಿವಿಧ್ ಪ್ರದೇಶಾಂನಿ ಶಿಂಪಡ್ಲಲೊ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಲೋಕ್ ತಾಂಚೆಂ ಆತ್ಮಿಕ್ ಕಾಯ್ದೆ ಪಾಳ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಆನಿ ಧಾರ್ಮಿಕ್ ಶಿಕವ್ಣ್ ಜೊಡ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಮೈಲಾಂಗಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಚಲೊನ್ ಇಗರ್ಜೆಕ್ ವೆತಾಲೊ. ಇಸ್ಕೊಲ್ ಶಿಕ್ಚೆಂ ಭಾಗ್ ಥೋಡ್ಯಾಂಕ್ ಮಾತ್ರ್ ಫಾವೊ ಜಾತಾಲೆಂ.

ಹೆ ಪರಿಗತೆಂತ್ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆ ನೊವ್ರ್ಯಾಕ್ ರೊಸಾಚೊ ಆನಿ ಕಾಜಾರಾಚೊ ದೀಸ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪಾವ್ತಾಲೊ ತಾಂಚ್ಯಾ ಲಗ್ನಾ ಜಿಣೆಯೆಕ್ ಬೂದ್‌ಬಾಳ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್. ಹೊಂದ್ವೊನ್ ಜಿಯೆಂವ್ಕ್. ಗೌರವ್ ದೀಂವ್ಕ್. ಕುಟ್ಮ್ ಜಿಣಿ ಸಾಂಬಾಳುಂಕ್. ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಕ್ ಮಾನ್ ದೀಂವ್ಕ್. ಘುಗ್ರ್ಯಾಬಾಳಾಂಕ್ ದೆಕುನ್ ಪೊಸುಂಕ್. ಕುಳಾರಾಚೊ ಗೌರವ್ ದವ್ರುಂಕ್. ಆವಯ್ ಬಾಪಯ್ಚೊ ಉಡಾಸ್ ದವ್ರುಂಕ್. ಭಾವಾಡ್ತಾಚಿಂ ಸತಾಂ ಶಿಕಂವ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್. ಹೆಂ ಶಿಕ್ಷಣ್ ಸಕಯ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಲಾಭ್ತಾಲೆಂ.

- ಚೊಕ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮಾಸಾಕ್ ರೊಸಾಚೆ ಪೊಳೆ. ಬಾಪಾಯ್ನ್ ಕೆಲ್ಲೊ ಉಪ್ಕಾರ್ ಸದಾಂ ಚಿಂತುನ್ ಪಳೆ.
- ಸಾಳಿಂ ಉಟ್ತಾನಾ ಹೊಕ್ಲೆ ಕುಳಾರಾಚಿಂ ಚಿಂತ್ನಾಂ. ಆವಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಚೊ ಮೋಗ್ ಉರೊಂ ಕಾಳ್ಜಾಂತ್ ಸದಾಂ.
- ದಿಸಾಕ್ ಪಯ್ಲು ವ್ರತ್ ರಾತಿಕ್ ಪಯ್ಲೊ ದೊವ್. ಪ್ರೊಳೆ ಕರ್ಸ್ ದೀ ಮೋವ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
- ಪಾನ್ ಪ್ರೊಡ್ ಖಾವ್ನ್ ಉಡಯ್ಲ್ಲು ಪೀಕ್. ನೆಣಾಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ ಕಾಮ್ ಮಾಂಯ್‌ಕಡೆನ್ ಶಿಕ್.
- ಮಿಲಾವಾಚ್ಯಾ ಕೊಯ್ತುಲಾಕ್ ಚಂಡೆಚೆಂ ಧೊರುಂ. ಮಾಂಯ್ ಜೀವನ್ ತಾರುಂ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಸಾಂಬಾಳ್ನ್ ವ್ಹರ್.
- ವೊಪ್ಶಾಂತ್ಲೆಂ ಝುಡ್ ಕೊಯ್ತೆನ್ ಬೆಂಡಿನಾಕಾ. ಉತ್ರಾಂನಿ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ಕ್ ಖೆಂಡಿನಾಕಾ.

- येज्मानिच्या हितलांत वालिचीं ताडां, मांयचीं दोन हाडां व्हकले जतन कर.
- आबोलें फुल्लां बांयलागीं, बरयाम गुणांनी चल व्हकले मांयलागीं.
- आयिल्ल्या सयऱ्यांक उदक मांद्री दिशी, म्हाल सून जाशी फाल्यां सोजांगेर.
- आयिल्ल्या सयऱ्यांक पाटी करिनाका, जेवाण दिल्या शिवाय तांका धाडिनाका.
- आंवदूं लायिल्ली वाल मुखारी जालें ताड, उलो कर्न वाड व्हकले मांवाक तुज्या.
- आमच्या घरा पाटल्यान बांधून गाल्या गाय, मांयक आयला वाय व्हकले तेल लाय.
- आमच्या घरा मुखार आसा पाज, पानपाळे भाज व्हकले मांवाक तुज्या.
- तापयिल्ल्ये कायलीर करुंक घाल्या भाक्री, म्हातारया प्रायेर मांयची कर चाक्री.
- सकाळीं उटोन केळीक घाल गोबर, घोवागेली खबर सांगोनाका आवयगेर.
- मांयक पळेवन भिये होकले मांवाक पळेवन लजे, शाभास म्हणोन जिये फाल्यां कोड्याळांत.
- एक ग्लास काफी दोन तीन ग्लासांक घाल्या, दोगी तेगी सुनो मेळोन मांय-मांवाची चाक्री करयाय.

६.६ देवाधीन जाल्ल्यां पासत वोवियो

कोंकणी क्रिसतांव काजारां वोवियांनी न्हंय फकत जिवंत आसल्ल्यांचो बगार देवाधीन जाल्ल्या मालघड्यांचो, देवाधीन जाल्ल्या बापय, आवय, आजो, आजी, भाव भयणीं आनी मोगाच्यांचो उडास काडन म्हणच्यो वोवियो आश्यो आसात.

- सर्गार आसल्ल्या बापय कसली तुका तान, धुवेन दिलां दान तुका ओपीस मीस.
- सर्गिंच्या बांयक भांगाराचें धांपणें, वेगीं आयलें आपोणें होकले बापायक तुज्या.
- सर्गिंच्या बांयक आड घाला रूक, एक गळय दूक होकले आवयक तुज्या.
- मांयचें येज्मानपण सुने अधीन दिलें, सर्गाराज जोडलें व्हरेता बापायन तुज्या.
- मेज आल्मार कर्न मेजार दवरला गलास, सर्गार जाला उल्लास तुज्ये आजियेक.
- मेज आल्मार कर्न मेजार दवरल्या गिंडी, सर्गार घाल्या दिंबी व्हरेता बापायन तुज्या.
- ह्यावी माटवांत बारा तेरा दिसां, पयलीं धाडल्यांत मिसां आमचा येज्मान्यान.
- घरा आयिल्ल्या सयऱ्यांक वोतून दी वायन, सर्गार आसा भयण होरेता उगडास काड.

६.७ सयऱ्यां दयऱ्यांक, दायजांक आनी कुटमाचांक उद्देसून वोवियो

अदल्या काळार काजाराचो संभ्रम लागशिल्या आनी पयशिल्या कुटमाच्या सांद्यांक, तशें वाड्यागारांक आनी मोगाच्यांक सांगाता येवंक एक अपूर्व संदर्भ जातालो. ह्या वेळा जमल्ल्या कुटमाच्या सांद्याक म्हणजे भाव भयणीं, मावळे, बापले, मावश्यो, मिवणे, देडे, माल्देडे, देडियो, लागशिल्या सयऱ्यांक, दायज्यांक, वाड्या गुर्काराक, आनी वाड्यागारांक उद्देसून, तांचा बरयाज म्हनाक धन्यवाद पाटवंक, तांका गौरव पाटवंक एक आवकास जावनासल्लो. ह्या खातीर ह्यो सकयल्यो वोवियो म्हणतात.

- ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಹಿತ್ಲಾಂತ್ ವಾಲಿಚೆಂ ತಾಡಾಂ, ಮಾಂಯ್ಚಿಂ ದೋನ್ ಹಾಡಾಂ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಜತನ್ ಕರ್.
- ಆಪೊಲೆಂ ಫುಲ್ಲಾಂ ಬಾಂಯ್‌ಲಾಗಿಂ, ಬರ್‍ಯಾ ಗುಣಾಂನಿ ಚಲ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್‌ಲಾಗಿಂ.
- ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್ ಉದಕ್ ಮಾಂದ್ರಿ ದಿಶಿ, ಮ್ಹಾಲ್ ಸುನ್ ಜಾಶಿ ಘಾಲ್ಯಾಂ ಸೊಜಾಂಗೆರ್.
- ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್ ಪಾಟಿ ಕರಿನಾಕಾ, ಜೆವಾಣ್ ದಿಲ್ಯಾ ಶಿವಾಯ್ ತಾಂಕಾ ಧಾಡಿನಾಕಾ.
- ಆಂವ್ಡಂ ಲಾಯಿಲ್ಲಿ ವಾಲ್ ಮುಖಾರಿ ಜಾಲೆಂ ತಾಡ್, ಉಲೊ ಕರ್ನ್ ವಾಡ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ
- ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಬಾಂಧುನ್ ಗಾಲ್ಯಾ ಗಾಯ್, ಮಾಂಯ್ಕ್ ಆಯ್ಲ ವಾಯ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ತೇಲ್ ಲಾಯ್.
- ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಖಾರ್ ಆಸಾ ಪಾಜ್, ಪಾನ್ಪಾಳೆ ಭಾಜ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
- ತಾಪಯಿಲ್ಲ್ಯೆ ಕಾಯ್ಲಿರ್ ಕರುಂಕ್ ಘಾಲ್ಯಾ ಭಾಕ್ರಿ, ಮ್ಹಾತಾರ್‍ಯಾ ಪ್ರಾಯೆರ್ ಮಾಂಯ್ಚಿ ಕರ್ ಚಾಕ್ರಿ.
- ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ಕಿಳಿಕ್ ಘಾಲ್ ಗೊಬರ್, ಘೊವಾಗೆಲಿ ಖಬರ್ ಸಾಂಗೊನಾಕಾ ಆವಯ್‌ಗೆರ್.

ಮಾಂಯ್ಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಭಿಯೆ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಲಜೆ, ಶಾಭಾಸ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಜಿಯೆ ಘಾಲ್ಯಾಂ ಕೊಡ್ಯಾಳಾಂತ್. ಏಕ್ ಗ್ಲಾಸ್ ಕಾಫಿ ದೋನ್ ತೀನ್ ಗ್ಲಾಸಾಂಕ್ ಘಾಲ್ಯಾ, ದೊಗಿ ತೆಗಿ ಸುನೊ ಮೆಳೊನ್ ಮಾಂಯ್-ಮಾಂವಾಚಿ ಚಾಕ್ರಿ ಕರ್‍ಯಾ.

6 ದೆವಾಧಿನ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾಂ ಪಾಸತ್ ವ್ರೊಪಿಯೊ

ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಕಾಜಾರಾಂ ವ್ರೊಪಿಯಾಂನಿ ನ್ಹಂಯ್ ಫಕತ್ ಜಿವಂತ್ ಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂಚೊ ಬಗಾರ್ ದೆವಾಧಿನ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಚೊ. ದೆವಾಧಿನ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಾಪಯ್, ಆವಯ್, ಆಜೊ, ಆಜಿ, ಭಾವ್ ಭಯ್ಣಿಂ ಆನಿ ಮೋಗಾಚ್ಯಾಂಚೊ ಉಡಾಸ್ ಡ್ನ್ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯೊ ವ್ರೊವಿಯೊ ಆಶ್ಯೊ ಆಸಾತ್.

- ಸ್ವರ್ಗಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಬಾಪಯ್ ಕಸ್ಲೆ ತುಕಾ ತಾನ್, ಧುವೆನ್ ದಿಲಾಂ ದಾನ್ ತುಕಾ ಒಪಿಸ್ ಮೀಸ್.
- ಸ್ವರ್ಗಿಂಚ್ಯಾ ಬಾಂಯ್ಕ್ ಭಾಂಗಾರಾಚೆಂ ಧಾಂಪ್ಣೆಂ, ವೆಗಿಂ ಆಯ್ಲಿಂ ಆಪ್ರೊಣೆಂ ಹೊಕ್ಲೆ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ತುಜ್ಯಾ
- ಸ್ವರ್ಗಿಂಚ್ಯಾ ಬಾಂಯ್ಕ್ ಆಡ್ ಘಾಲಾ ರೂಕ್, ಏಕ್ ಗಳಯ್ ದೂಕ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಆವಯ್ಕ್ ತುಜ್ಯಾ
- ಮಾಂಯ್ಚಿಂ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಪಣ್ ಸುನೆ ಅಧೀನ್ ದಿಲೆಂ, ಸ್ವರ್ಗಾರಾಜ್ ಜೊಡ್ಲೆಂ ವ್ಹರೆತಾ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ
- ಮೇಜ್ ಆಲ್ತಾರ್ ಕರ್ನ್ ಮೆಜಾರ್ ದವರ್ಲಾ ಗಲಾಸ್, ಸ್ವರ್ಗಾರ್ ಜಾಲಾ ಉಲ್ಲಾಸ್ ತುಜ್ಯೆ ಆಜಿಯೆಕ್.
- ಮೆಜ್ ಆಲ್ತಾರ್ ಕರ್ನ್ ಮೆಜಾರ್ ದವರ್ಲ್ಯಾ ಗಿಂಡಿ, ಸ್ವರ್ಗಾರ್ ಘಾಲ್ಯಾ ದಿಂಬಿ ವ್ಹರೆತಾ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ
- ತ್ಯಾವಿ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಬಾರಾ ತೆರಾ ದಿಸಾಂ, ಪಯ್ಲಿಂ ಧಾಡ್ಲ್ಯಾಂತ್ ಮಿಸಾಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾನ್.
- ಘರಾ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್ ವ್ರೊತುನ್ ದೀ ವಾಯ್ನ್, ಸ್ವರ್ಗಾರ್ ಆಸಾ ಭಯ್ಣ್ ಹೊರೆತಾ ಉಗ್ಡಾಸ್ ಕಾಡ್.

.7 ಸಯ್ರ್ಯಾಂ ದಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್, ದಾಯ್ಜಾಂಕ್ ಆನಿ ಕುಟ್ಮಾಚಾಂಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವ್ರೊಪಿಯೊ

ಅದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಕಾಜಾರಾಚೊ ಸಂಭ್ರಮ್ ಲಾಗ್ಲ್ಯಾ ಆನಿ ಪಯ್ಸ್ಲ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಚ್ಯಾ ಸಾಂದ್ಯಾಂಕ್, ತಶೆಂ ವಾಡ್ಯಾಗಾರಾಂಕ್ ಆನಿ ಮೋಗಾಚ್ಯಾಂಕ್ ಸಾಂಗಾತಾ ಯೇಂವ್ಕ್ ಏಕ್ ಅಪೂರ್ವ್ ಸಂದರ್ಭ್ ಜಾತಾಲೊ. ತ್ಯಾ ವೆಳಾ ಜಮ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಚ್ಯಾ ಸಾಂದ್ಯಾಂಕ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಭಾವ್ ಭಯ್ಣಿಂ, ಮಾವ್ಶೆ, ಬಾಪ್ಶೆ, ಮಾವ್ಲ್ಯೊ, ಪಿನ್ಶೆ, ದೆಡೆ, ಮಾಲ್ಘಡೆ, ದೆಡಿಯೊ, ಲಾಗ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್, ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್, ವಾಡ್ಯಾ ಗುರ್ಕಾರಾಕ್, ಆನಿ ವಾಡ್ಯಾಗಾರಾಂಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್, ತಾಂಚ್ಯಾ ಬರ್‍ಯಾ ಮ್ಹನ್ಸಾಕ್ ಧನ್ಯವಾದ್ ಪಾಟಂವ್ನ್, ತಾಂಕಾ ಗೌರವ್ ಪಾಟಂವ್ಕ್ ಏಕ್ ಅವ್ಕಾಸ್ ಜಾವ್ನಾಸ್‌ಲ್ಲೊ. ತ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಹ್ಯೊ ಸಕಯ್ಲ್ಯೊ ವ್ರೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್.

- पानपोड थिमटी सुनो आसा ताटांत, दायजी सर्व जम्ल्यात येज्मान्या माटवांत.
- येज्मानिच्या हातांत भांगाराचो चुडो, सगळो भरला वाडो व्हरेताच्या माटवांत.
- रोसाच्या माटवांत शिरोतिगी पान, पयलो दियात मान वाड्याच्या गुर्काराक.
- बापल्यो रोस लायता, मनांत कितें चिंता, बरेंपण मागता, तुज्या काजाराक.
- भाताच्या राशीर, बसोन आसा कावळो, मुंडासगार मावळो आतां रोस लायता.
- मांद्री कोवळून मांद्रेचो केलो कोवळो, मानाचो वोवळो मावळो दुबाय ऊरलोट.
- माडाची चुडेती कानाची कोवळी, मानाची व्होवळी भयण पर्गांवांत उरली.
- येज्मानिच्या हुंबरार व्हड आसा पागर, भोव आसा आधार व्हरेता मिवण्यांचो.
- आयिल्ले माले, पाट पर्तोन गेले, पांयशी रुपय चडोवन आजियेन आपोयिले.
- आंब्याचे फांटे कोयतेन सवोरले, बोरे वावुरले होकले भाव तुजे.
- आवाळ्याच्या रुका मुळा रोंपी कुवाळ्याची, देराच्या काजाराक भावोज दुवाळ्यांची.
- आम्साण मिर्सांग वाटुंक वान, दोडो दी मान व्हरेता मिवण्यांक तुज्या.
- ह्यावी माटवांत बापले तुजे म्हाल, तुज्या बापायचा खाल बापल्यो रोस लायता.
- ह्या वी सयरिकेक नातल्लें आमकां गुमान, मावळो आसा जमान ह्या सयरिकेक.
- सकाळिंच्या जेवणा आल्याची केल्या दोस, नंडांक घेवन फाल्या जेवणाक बस.
- चांप्याची पाकळी माळिनाका मेकळी, घरा आसा धाकली होकले नणंद तुजी.
- लोबांगेल्या माडार गुंडू गुंडू बोंडो, गुंडू गुंडू देडे आमच्या होरेताक.
- वोवळ्यांच्या आंगार रंग रंग साडियो, चंद चंद देडियो आमच्या होकलेक.

६.८ धार्मीक व्यक्तिंक उद्देसून वोवियो

लोकाच्या खंयच्याय धार्मीक तशेंच सामाजीक कार्यक्रमांनी धार्मीक व्यक्तिंचे हाजरपाण भोव गौरवाचें, मानाचें आनी भक्तिचें जावंक पावता. रोसाच्या दिसा फिर्गज विगार वा धार्मिकां हाजर आसोन मागणें कर्तात आनी होकले नवऱ्याक बरें माग्तात तशेंच काजाराच्या दिसा याजकांचो पात्र भोव अवश्य. कित्याक रेस्पेराचें धार्मीक कार्यें कातोलीक भावाडता पर्माणें याजका हुजीर इगर्जिंत जायजाय. ह्या दोनी संभ्रम वेळार याजक, धार्मीक भयणीं हाजर आसल्यार कार्याचो गौरव चडता. देकून तांका मान कर्च्याक ह्यो वोवियो म्हणतात.

- सांताक्रूज कोवेंतांत धा बारा माद्री, तेग जण पाद्री तुज्या रेस्पेराक.
- सकाळीं उटोन तोंड धू झरी, रुजायचो विगार तुजें रेस्पेर करी.
- इगर्जेच्या वोडतांत फुल्ली ती दांव, विगार विचारीत नांव तुजें कितें म्हण.
- पात फुल्ली पातीक आयलीं कणसां, विगार विचारीत वर्सां तुका कितलीं म्हण.
- रेस्पेर जावन तिवीं देचलीं मार्गा, दसकत पडली वर्गा पाद्री विगाराच्या.
- रेस्पराक वेता व्हरेत तकली ताची तापली, सत्री धाडून दिली कोर्देल्च्या काजितोरान.

- ಪಾನ್‌ಫ್ರೊಡ್ ಧಿಮ್ಳಿ ಸುನೊ ಆಸಾ ತಾಟಾಂತ್, ದಾಯ್ಜಿ ಸರ್ವ್ ಜಮ್ಲ್ಯಾತ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್.
- ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಹಾತಾಂತ್ ಭಾಂಗಾರಾಚೊ ಚುಡೊ, ಸಗ್ಳೊ ಭರ್ಲಾ ವಾಡೊ ವ್ಹರೆತಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್.
- ರೊಸಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಶಿರೊತಿಗಿ ಪಾನ್, ಪಯ್ಲೊ ದಿಯಾತ್ ಮಾನ್ ವಾಡ್ಯಾಚ್ಯಾ ಗುರ್ಕಾರಾಕ್.
- ಬಾಪ್ಸ್ಲ್ಯೊ ರೊಸ್ ಲಾಯ್ತಾ ಮನಾಂತ್ ಕಿತೆಂ ಚಿಂತಾ, ಬರೆಂಪಣ್ ಮಾಗ್ತಾ ತುಜ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್.
- ಭಾತಾಚ್ಯಾ ರಾಶಿರ್, ಬಸೊನ್ ಆಸಾ ಕಾವ್ಳ್ಯೊ ಮುಂಡಾಸ್‌ಗಾರ್ ಮಾವ್ಳ್ಯೊ ಆತಾಂ ರೊಸ್ ಲಾಯ್ತಾ.
- ಮಾಂದ್ರಿ ಕೊವ್ಳುನ್ ಮಾಂದ್ರೆಚೊ ಕೆಲೊ ಕೊವ್ಳ್ಯೊ ಮಾನಾಚೊ ವೊವ್ಳ್ಯೊ ಮಾವ್ಳ್ಯೊ ದುಬಾಯ್ ಉರ್ಲೊ.
- ಮಾಡಾಚಿ ಚುಡೆತಿ ಕಾನಾಚಿ ಕೊಪ್ಳಿ ಮಾನಾಚಿ ವ್ಹೊವ್ಳಿ ಭಯ್ಣ್ ಪರ್ಗಾಂವಾಂತ್ ಉರ್ಲಿ.
- ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಹುಂಬ್ರ್ಯಾರ್ ವ್ಹಡ್ ಆಸಾ ಪಾಗುರ್, ಭೊವ್ ಆಸಾ ಆಧಾರ್ ವ್ಹರೆತಾ ಮಿಷ್ಣ್ಯಾಂಚೊ.
- ಆಯಿಲ್ಲೆ ಮಾಲ್ಡೆ ಪಾಟ್ ಪರ್ತೊನ್ ಗೆಲೆ, ಪಾಂಯ್ಶಿ ರುಪಯ್ ಚಡೊವ್ನ್ ಆಜಿಯೆನ್ ಆಪ್ರೊಯಿಲೆ.
- ಆಂಬ್ಯಾಚೆ ಫಾಂಟೆ ಕೊಯ್ತುನ್ ಸವ್ರೊರ್ಲೆ, ಬೊರೆ ವಾವ್ರುರ್ಲೆ ಹೊಕ್ಲೆ ಭಾವ್ ತುಜೆ.
- ಆವಾಳ್ಯಾಚ್ಯಾ ರುಕಾ ಮುಳಾ ರೊಂಪಿ ಕುವಾಳ್ಯಾಚಿ, ದೆರಾಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಭಾವ್ರೊಜ್ ದುವಾಳ್ಯಾಂಚಿ.
- ಆಮ್ಸಾಣ್ ಮಿಸ್ರಾಂಗ್ ವಾಟುಂಕ್ ವಾನ್, ದೊಡೊ ದೀ ಮಾನ್ ವ್ಹರೆತಾ ಮಿಷ್ಣ್ಯಾಂಕ್ ತುಜ್ಯಾ
- ಹ್ಯಾವಿ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಬಾಪ್ಲೆ ತುಜೆ ಮ್ಹಾಲ್, ತುಜ್ಯಾ ಬಾಪಾಯ್ಟಾ ಖಾಲ್ ಬಾಪ್ಸ್ಲ್ಯೊ ರೊಸ್ ಲಾಯ್ತಾ.
- ಹ್ಯಾ ವೀ ಸಂಯ್ರಿಕ್ ನಾತ್ಲ್ಲೊಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಗುಮಾನ್, ಮಾವ್ಳ್ಯೊ ಆಸಾ ಜಮಾನ್ ಹ್ಯಾ ಸಂಯ್ರಿಕ್.
- ಸಕಾಳಿಂಚ್ಯಾ ಜೆವ್ಣಾ ಆಲ್ಯಾಚಿ ಕೆಲ್ಯಾ ದೊಸ್, ನಂಡಾಂಕ್ ಫೆವ್ನ್ ಫಾಲ್ಯಾ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ಬಸ್.
- ಚಾಂಪ್ಯಾಚಿ ಪಾಕ್ಳಿ ಮಾಳಿನಾಕಾ ಮೆಕ್ಳಿ, ಘರಾ ಆಸಾ ಧಾಕ್ಲೆ ಹೊಕ್ಲೆ ನಣಂದ್ ತುಜಿ.
- ಲೊಬಾಂಗೆಲ್ಯಾ ಮಾಡಾರ್ ಗುಂಡು ಗುಂಡು ಬೊಂಡೊ, ಗುಂಡು ಗುಂಡು ದೆಡೆ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಕ್.
- ವೊವ್ಳ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಅಂಗಾರ್ ರಂಗ್ ರಂಗ್ ಸಾಡಿಯೊ, ಚಂದ್ ಚಂದ್ ದೆಡಿಯೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.

6.8 ಧಾರ್ಮಿಕ್ ವ್ಯಕ್ತಿಂಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊವಿಯೊ

ಲೋಕಾಚ್ಯಾ ಖಿಂಯ್ಸ್ತಾಂಯ್ ಧಾರ್ಮಿಕ್ ತಶೆಂಚ್ ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಕಾರ್ಯಕ್ರಮಾಂನಿ ಧಾರ್ಮಿಕ್ ವ್ಯಕ್ತಿಂಚೆಂ ಹಾಜರ್ಪಣ್ ಭೋವ್ ಗೌರವಾಚೆಂ. ಮಾನಾಚೆಂ ಆನಿ ಭಕ್ತಿಚೆಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪಾವ್ತಾ. ರೊಸಾಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಫಿರ್ಗಜ್ ವಿಗಾರ್ ವಾ ಧಾರ್ಮಿಕಾಂ ಹಾಜರ್ ಆಸೊನ್ ಮಾಗ್ಣೆಂ ಕರ್ತಾತ್ ಆನಿ ಹೊಕ್ಲೆ ನವ್ರ್ಯಾಕ್ ಬರೆಂ ಮಾಗ್ತಾತ್. ತಶೆಂಚ್ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಯಾಜಕಾಂಚೊ ಪಾತ್ರ್ ಭೋವ್ ಅವಸ್ರ್. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ರೆಸ್ಪರಾಚೆಂ ಧಾರ್ಮಿಕ್ ಕಾರ್ಯೆಂ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಭಾವಾಡ್ತಾ ಪಮಾರ್ಣೆಂ ಯಾಜಕಾ ಹುಜಿರ್ ಇಗರ್ಜೆಂತ್ ಜಾಯ್ತಾಯ್. ಹ್ಯಾ ದೋನಿ ಸಂಭ್ರಮಾ ವೆಳಾರ್ ಯಾಜಕ್. ಧಾರ್ಮಿಕ್ ಭಯ್ಣಿಂ ಹಾಜರ್ ಆಸ್ಲ್ಯಾರ್ ಕಾರ್ಯಾಚೊ ಗೌರವ್ ಚಡ್ತಾ. ದೆಕುನ್ ತಾಂಕಾಂ ಮಾನ್ ಕರ್ಚ್ಯಾಕ್ ಹ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್.

- ಸಾಂತಾಕ್ರೂಜ್ ಕೊವೆಂತಾಂತ್ ಧಾ ಬಾರಾ ಮಾದ್ರಿ, ತೇಗ್ ಜಣ್ ಪಾದ್ರಿ ತುಜ್ಯಾ ರೆಸ್ಪಿರಾಕ್.
- ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ತೊಂಡ್ ಧು ಝುರಿ, ರುಜಾಯ್ಚೊ ವಿಗಾರ್ ತುಜೆಂ ರೆಸ್ಪಿರ್ ಕರಿ.
- ಇಗರ್ಜೆಚ್ಯಾ ವೊಡ್ತಾಂತ್ ಫುಲ್ಲಿ ತಿ ದಾಂವ್, ವಿಗಾರ್ ವಿಚಾರಿತ್ ನಾಂವ್ ತುಜೆಂ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹುಣ್.
- ಪಾತ್ ಫುಲ್ಲಿ ಪಾತಿಕ್ ಆಯ್ಲಿಂ ಕಣ್ಸಾಂ, ವಿಗಾರ್ ವಿಚಾರಿತ್ ವರ್ಸಾಂ ತುಕಾ ಕಿತ್ಲಿಂ ಮ್ಹುಣ್.
- ರೆಸ್ಪಿರ್ ಜಾವ್ನ್ ತಿವಿಂ ದೆಲ್ಲಿಂ ಮಾರ್ಗಾ, ದಸ್ಕತ್ ಪಡ್ಲಿ ವರ್ಗಾ ಪಾದ್ರಿ ವಿಗಾರಾಚ್ಯಾ
- ರೆಸ್ಪಿರಾಕ್ ವೆತಾ ವ್ಹರೆತ್ ತಕ್ಲೆ ತಾಚೆ ತಾಪ್ಲಿ, ಸತ್ರಿ ಧಾಡುನ್ ದಿಲಿ ಕೊರ್ಡೆಲ್ಯಾ ಕಾಜಿತೊರಾನ್.

६.९ तमाशे कर्च्याक वोवियो

रोसाच्या आनी काजाराच्या काऱ्याक कुटमाचीं तशें मोगाचीं, ईषट मंत्रां, सांगाता मेळतात. ह्या वेळार नोवऱ्याक वा होकलेक वा तांच्या व्हडिलांक लागशिल्यान वळकोंचे व्यक्ती तांकां तुकलावंक, पांय वोडुंक, इल्लें मनोरंजन दीवंक, तमाशे करुंक ह्यो वोवियो म्हणतात.

- बारा पावटीं उटलो येज्मान बारा पावटीं बसलो, साडो मोलायताना मुंडू ताचो सुटलो.
- भांगार तुकून दिलां येज्मानीन केंपा वज्राचीं मुद्यां, कूसल्लीं दुद्यां ह्यायी वोजां वयर.
- बारा मुडे सासांव, तेरा मुडे जिरें, व्हड आसा भिरें होकले व्हरेताचें.
- बायेक काजार म्हण पाटली भयण हासता, दुडवांनी कुसता व्हकले मांव तुजो.
- लोबांगेल्या माडार गुंडू गुंडू बोंडो, गुंडू गुंडू देडे आमच्या होरेताक.
- वाटेवयलो पिंपोळ पानाफोडिचो, घडामोडिंचो होकले देर तुजो.
- आयिल्ले माले, पाट पर्तोन गेले, पांयशी रुपय चडोवन आजियेन आपोयिले.
- आवाळ्याच्या रुका मुळा रोंपी कुवाळ्याची, देराच्या काजाराक भावोज दुवाळ्यांची.
- आमच्या हितलांत आंब्याची ससी, फुटोवंक ना मिशी व्हकले व्हरेताक तुज्या.
- आयचे रातीर नीद बोरी काड, फाल्या राती आंकवारपणा गूट सोड.
- उर्वा मयदानार जमो पिश्यांचो, केंच्या मिश्यांचो आमचो व्हरेत बाब.
- कोंबियेन काडलीं पिलां ऊरलो? एक कोंबलो, बोंबय बांदला बंगलो आमचा व्हरेतान.
- गोंयचो गोंयकार, भुंयचो भुंयकार कुवैटचो सावकार आमचो व्हरेत बाब.
- पुत्तूरचें पेंटेंत विकुंक घाल्यात चणे, ताळवेर केस उणे आमचा व्हरेताक.
- प्रायेन ल्हान व्हरेत दाडीन वाडलो, दुडवाचे आशेक बापायन फोरीन धाडलो.
- वालिच्या कदेला बिटिचे पांय, कदेलाचे राय होकले नंडावे तुजे.
- मंजेश्वरच्या न्हंयत वर्साक एक पावटीं सषट, आरब्यांजचो ईषट होकले व्हरेत तुजो.
- दऱ्यांतली मासळी पिटी पिटी उडता, सुनेक पळेवन मांय मिटियो मार्ता.
- फूल भांगार माळून व्हकाल हांगागी तिंगा, त्या व्हरेता मंगाक हांगा येवंक सांगा.
- भितरल्या कुडांत पोळ्यांची कायल, वकीलाची बायल होकले मांय तुजी.
- येज्मान आमची बाय पळेयताना भोळी, तिणें खेल्या गुळी जिर्गी–मिर्सांगेची.

६.१० बरें मागच्यो, शुभाशय दिंवच्यो वोवियो

रोसाचो तशेंच काजाराचो संभ्रम जावंक पावता काजार जांवच्या होकले नवऱ्याक तांच्या मुकल्या काजारी जीवनाक उग्त्यान बरें मागोन शुभाशय पाटंवच्याक एक अवकास. आदल्या काळार, आयच्या काळार आसल्लेबरीं शुभाशय पाटवंक माध्यमां तशेंच वसतू नातल्ल्यो. बगार ह्या सकयल्या विंचणार उत्रांनी तांकां बरें माग्ताले.

- नारलाचो रोस दिसता आपूट धवो, कुटमासंगीं उरों शाश्वीत एकवट तुजो.
- नारलाचें तेल व्हरेता घटायेक बरें, मुकलें जिणें जांव तुजें रगळ्यांविणें.

ತಮಾಶೆ ಕರ್ಚ್ಯಾಕ್ ವೊವಿಯೊ

ರೊಸಾಚ್ಯಾ ಆನಿ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಾಕ್ ಕುಟ್ಮಾಚಿಂ ತಶೆಂ ಮೊಗಾಚಿಂ, ಈಷ್ಟ್ ...ತ್ರಾಂ, ಸಾಂಗಾತಾ ಮೆಳ್ತಾತ್. ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ನೊವ್ರ್ಯಾಕ್ ವಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ವಾ ತಾಂಚ್ಯಾ ...ಲಾಂಕ್ ಲಾಗ್ತಿಲ್ಯಾನ್ ವಳ್ಕೊಂಚೆ ವ್ಯಕ್ತಿ ತಾಂಕಾಂ ತುಕ್ಲಾಂವ್ಕ್, ಪಾಂಯ್ ವೊಡುಂಕ್, ...ಂ ಮನೋರಂಜನ್ ದೀಂವ್ಕ್, ತಮಾಶೆ ಕರುಂಕ್ ಹ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್.

- ಬಾರಾ ಪಾವ್ಟಿಂ ಉಟ್ಲೊ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಬಾರಾ ಪಾವ್ಟಿಂ ಬಸ್ಲೊ, ಸಾಡೊ ಮೊಲಾಯ್ತಾನಾ ಮುಂಡು ತಾಚೊ ಸುಟ್ಲೊ
- ಭಾಂಗಾರ್ ತುಕುನ್ ದಿಲಾಂ ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್ ಕೆಂಪಾ ವಜ್ರಾಚಿಂ ಮುದ್ಯಾಂ, ಕುಸ್ಲಿಂ ದುದ್ಯಾಂ ಹ್ಯಾಯಿ ವೊಜಾಂ ವಯ್ರ್.
- ಬಾರಾ ಮುಡೆ ಸಾಸಾಂವ್, ತೆರಾ ಮುಡೆ ಜಿರೆಂ, ವ್ಹಡ್ ಆಸಾ ಭಿರೆಂ ಹೊಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತಾಚೆಂ.
- ಬಾಯೆಕ್ ಕಾಜಾರ್ ಮ್ಹಣ್ ಪಾಟ್ಲ ಭಯ್ಣ್ ಹಾಸ್ತಾ, ದುಡ್ವಾಂನಿ ಕುಸ್ತಾ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂವ್ ತುಜೊ.
- ಲೊಬಾಂಗೆಲ್ಯಾ ಮಾಡಾರ್ ಗುಂಡು ಗುಂಡು ಬೊಂಡೊ, ಗುಂಡು ಗುಂಡು ದೆಡೆ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಕ್.
- ವಾಟೆವಯ್ಲೊ ಪಿಂಪ್ಳೊ ಪಾನಾಪ್ರೊಡಿಚೊ, ಘಡಾಮೊಡಿಂಚೊ ಹೊಕ್ಲೆ ದೇರ್ ತುಜೊ.
- ಆಯಿಲ್ಲೆ ಮಾಲೆ, ಪಾಟ್ ಪರ್ತೊನ್ ಗೆಲೆ, ಪಾಂಯ್ತಿ ರುಪಯ್ ಚಡೊವ್ನ್ ಆಜಿಯೆನ್ ಆಪ್ರೊಯಿಲೆ.
- ಆವಾಳ್ಯಾಚ್ಯಾ ರುಕಾ ಮುಳಾ ರೊಂಪಿ ಕುವಾಳ್ಯಾಚಿ, ದೆರಾಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಭಾವ್ರೊಜ್ ದುವಾಳ್ಯಾಂಚಿ.
- ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕಿತ್ಲಾಂತ್ ಆಂಬ್ಯಾಚಿ ಸೆಸ್, ಫುಟೊಂವ್ಕ್ ನಾ ಮಿರಿ ವ್ಹಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
- ಆಯ್ಚಿ ರಾತಿರ್ ನೀದ್ ಚೊರಿ ಕಾಡ್, ಫಾಲ್ಯಾ ರಾತಿ ಆಂಕ್ವಾರ್ಪಣಾ ಗುಟ್ ಸೊಡ್.
- ಉರ್ವಾ ಮಯ್ದಾನಾರ್ ಜಮೊ ಪಿಶ್ಯಾಂಚೊ, ಕೆಂಚ್ಯಾ ಮಿಶ್ಯಾಂಚೊ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
- ಕೊಂಬಿಯೆನ್ ಕಾಡ್ಲಿಂ ಪಿಲಾಂ ಉರ್ಲೊ ಏಕ್ ಕೊಂಬ್ಲೊ, ಬೊಂಬಯ್ ಬಾಂದ್ಲಾ ಬಂಗ್ಲೊ ಆಮ್ಚಾ ವ್ಹರೆತಾನ್.
- ಗೊಂಯ್ಚೊ ಗೊಂಯ್ಕಾರ್, ಭುಂಯ್ಚೊ ಭುಂಯ್ಕಾರ್ ಕುವ್ಯೆಟ್ಚೊ ಸಾವ್ಕಾರ್ ಆಮ್ಚೊ ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬ್.
- ಫ್ರುತ್ಸುರ್ಲ ಪೆಂಟೆಂತ್ ವಿಕುಂಕ್ ಫಾಲ್ಯಾತ್ ಚಣೆ, ತಾಳ್ವೆರ್ ಕೆಸ್ ಉಣೆ ಆಮ್ಚಾ ವ್ಹರೆತಾಕ್.
- ಪ್ರಾಯೆನ್ ಲ್ಹಾನ್ ವ್ಹರೆತ್ ದಾಡಿನ್ ವಾಡ್ಲೊ, ದುಡ್ವಾಚೆ ಆಶೆಕ್ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ಪೊರಿನ್ ಧಾಡ್ಲೊ
- ವಾಲಿಚ್ಯಾ ಕದೆಲಾ ಬಿಟಿಚೆ ಪಾಂಯ್, ಕದೆಲಾಚೆ ರಾಯ್ ಹೊಕ್ಲೆ ನಂಡಾವೆ ತುಜೆ.
- ಮಂಜೇಶ್ವರ್‌ಚ್ಯಾ ನ್ಹಂಯ್ತ್ ವರ್ಸಾಕ್ ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ಸುಷ್ಟ್, ಆರ್ಬ್ಯಾಂಚೊ ಈಷ್ಟ್ ಹೊಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತ್ ತುಜೊ.
- ದರ್ಯಾಂತ್ಲಿ ಮಾಸ್ಳಿ ಪಿಟಿ ಪಿಟಿ ಉಡ್ತಾ, ಸುನೆಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಮಾಂಯ್ ಮಿಟಿಯೊ ಮಾರ್ತಾ.
- ಫುಲ್ ಭಾಂಗಾರ್ ಮಾಳುನ್ ವ್ಹಾಲ್ ಹಾಂಗಾಗಿ ತಿಂಗಾ, ತ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾ ಮಂಗಾಕ್ ಹಾಂಗಾ ಯೆಂವ್ಕ್ ಸಾಂಗಾ.
- ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಂತ್ ಪೊಳ್ಯಾಂಚಿ ಕಾಯ್ಲ್, ವಕೀಲಾಚಿ ಬಾಯ್ಲ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ ತುಜಿ.
- ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಆಮ್ಚಿ ಬಾಯ್ ಪಳೆಯ್ತಾನಾ ಘೊಳಿ, ತಿಕೆಂ ಖೆಲ್ಯಾ ಗುಳಿ ಜರ್ಗಿ–ಮಿಸ್ರಾಂಗೆಚಿ.

...10 ಬರೆಂ ಮಾಗ್ಚ್ಯಾ, ಶುಭಾಶಯ್ ದಿಂವ್ಚ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ

ರೊಸಾಚೊ ತಶೆಂಚ್ ಕಾಜಾರಾಚೊ ಸಂಭ್ರಮ್ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪಾವ್ತಾ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ...ಹೊಕ್ಲೆ ನವ್ರ್ಯಾಕ್ ತಾಂಚ್ಯಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಕಾಜಾರಿ ಜೀವನಾಕ್ ಉಗ್ತ್ಯಾನ್ ಬರೆಂ ಮಾಗೊನ್ ...ಶುಭಾಶಯ್ ಪಾಟಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ಏಕ್ ಆವ್ಕಾಸ್. ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್, ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ...ಆಸ್ಲೆಬರಿಂ ಶುಭಾಶಯ್ ಪಾಟಂವ್ಕ್ ಮಾಧ್ಯಮಾಂ ತಶೆಂಚ್ ವಸ್ತು ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ, ಬಗಾರ್ ...ಹ್ಯಾ ಸಕಯ್ಲ್ಯಾ ಪಂಚ್ಲ್ಯಾರ್ ಉತ್ರಾಂನಿ ತಾಂಕಾಂ ಬರೆಂ ಮಾಗ್ತಾಲೆ.

- ನಾಲ್ರ್ಾಚೊ ರೋಸ್ ದಿಸ್ತಾ ಆಪ್ರುಟ್ ಧವ್ರೊ, ಕುಟ್ಮಾಸಂಗಿಂ ಉರೊಂ ಶಾಶ್ವಿತ್ ಏಕ್ವಟ್ ತುಜೊ.
- ನಾಲ್ರ್ಾಚೆಂ ತೇಲ್ ವ್ಹರೆತಾ ಘಟಾಯೆಕ್ ಬರೆಂ, ಮುಕ್ಲೆಂ ಜಿಣೆಂ ಜಾಂವ್ ತುಜೆಂ ರಗ್ಸ್ಯಾಂವಿಣೆ

- बापल्यो रोस लायता, मनांत कितें चिंता, बरेंपण माग्ता, तुज्या काजाराक.
- दिंबी आमी घालुयां, खुर्साची कुरू काडुयां, कुर्पा आमी मागुयां, आमचा जेजुलागीं.
- पयली सांताकूर, दुस्रें केलां तेसांव, जेजुचें बेसांव, आमच्ये होकलेक.
- येज्मान्या राया कितें तुजें चीत, हाच्याकी वर्तें सांत आंतोन बाप दीत.
- कोसेस माय सयरी, रुजार माय घर्ची, तिणें कुर्पा दिंवची आमच्ये होकलेक.
- रेस्पेर जावन पियेंत घालो हात, बेसांवां दीगे सात संतानी पिल्यादाक.
- सोड सोड व्हकले आंकवारपणा न्हेसाण, आयच्यान जालें सासण तुका सिलवागेलें.
- मांयक पळेवन भिये होकले मांवाक पळेवन लजे, शाभास म्हणोन जिये फाल्यां कोड्याळांत.
- काजाराच्या घरा कुवाळो शिरेसट, देव गिरेसत पिड्डकेक बेसांव दींव.
- देवा बापान केली सयरीक आंज भडवो म्हालो, पवित्र आत्मो आयलो तुमक बेसांव दीवंक.
- आंकवारी माये सर्गार तुजे हात, बेसांव दी सात तिच्ये सर्पळेक.
- सन्वाराचो दीस आयताराक लागीं, तुमची होकाल आज व्हरेतालागीं.
- आयच्यान सोड होकले आंकवारपणाचो भेस, साडो न्हेसोन नोवऱ्यासंगीं सोव्यार बस.
- काजाराच्या घरा लोकगी रयत, कोसेस माय सयत जेजून येतां म्हळां.

६.११ दुखंवच्यो-आक्मान-खोडी काडच्यो वोवियो

आमचीं मालघडीं उत्रांनी आनी कर्न्यांनी शीदा मनश्यां. कसल्यायी संदर्भां वा कार्‍यांनी कोणायकी उत्रांनी दुकंवचें नागरिकपण न्हंय. तरी आमचीं मालघडीं कांय दाक्षेण नासताना जाल्ले नासमाधान, पोटाजाळ, वोवियो म्हणताना शीदा सांगोन सोडतालीं. देकून कार्‍ये काडतेल्यांनी कितेंच नासमाधान नासताना कार्‍यें मांडिजाय आसल्लें. आसल्यो वोवियो आतां म्हणानांत.

- येज्मानी बाये कित्याकगे वोगी, आपयले घुगी तुज्या दायज्यांक.
- येज्मानिच्या घरा पाक्याक दोनशीं तिनशीं बुराक, येज्मान्याक लागला सुरात एक ड्राम सोरो दिंवच्याक.
- आमच्या गाद्यांत घाल्या दूधीण, राग आयल्यार वागीण आमची व्हकालबाय.
- आमच्या गाद्यांत घाल्या दुदीण, घरा आसा वागीण होकले नणंद तुजी.
- आमच्या घराक बिटिचो दार्वोंत, घरा आसा कोर्वोंत होकले नणंद तुजी.
- येज्मान आमची बाय पळेयतानां भोळी, तेणें खेल्या गुळी जिर्गी मिर्सांगेची.
- मागा महिन्यांत पावस बिरबिरो, दोळे मिणकिरो आमचो होरेत बाब.
- माडा वयली पोय हालोन धलोन पडी, दवलत चडली होरेता भयणिंक तुज्या.

६.१२ पर्गांवांत आसल्ल्यां पासत वोवियो

काजार सोबाणांक आदल्या काळार चडावत सैरीं पयलेंच येतालीं. तरी थोडेपावट पर्गांवाक दिस्पडतो ग्रास जोडुंक गेल्ल्या कुटमाच्या सांद्यांक काजाराच्या कार्‍याक येवंक जायनातल्ल्यावेळार तसल्यांक उद्देसून वोवियो आसात.

- ಬಾಷ್ಟ್ಯಾ ರೊಸ್ ಲಾಯ್ತಾ ಮನಾಂತ್ ಕಿತೆಂ ಚಿಂತಾ, ಬರೆಂಪಣ್ ಮಾಗ್ತಾ ತುಜ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್.
- ದಿಂಬಿ ಆಮಿ ಘಾಲುಯಾಂ, ಖುರ್ಸಾಚಿ ಕುರು ಕಾಡುಯಾಂ, ಕುರ್ಪಾ ಆಮಿ ಮಾಗುಯಾಂ, ಆಮ್ಚಾ ಜೆಜುಲಾಗಿಂ.
- ಪಯ್ಲಿ ಸಾಂತಾಕುರ್, ದುಸ್ರೆಂ ಕೆಲಾಂ ತೆಸಾಂವ್, ಜೆಜುಚೆಂ ಬೆಸಾಂವ್, ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.
- ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾ ರಾಯಾ ಕಿತೆಂ ತುಜೆಂ ಚೇತ್, ಹಾಚ್ಯಾಕೀ ವರ್ತೆಂ ಸಾಂತ್ ಆಂತೊನ್ ಬಾಪ್ ದೀತ್.
- ಕೊಸೆಸ್ ಮಾಯ್ ಸಯ್ರಿ, ರುಜಾರ್ ಮಾಯ್ ಘರ್ಚಿ, ತಿಚೆಂ ಕುರ್ಪಾ ದಿಂವ್ಚಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.
- ರೆಸ್ಟಿರ್ ಜಾವ್ನ್ ಪಿಯೆಂತ್ ಘಾಲೊ ಹಾತ್, ಬೆಸಾಂವಾಂ ದೀಗೆ ಸಾತ್ ಸಂತಾನಿ ಪಿಲ್ಯಾದಾಕ್.
- ಸೊಡ್ ಸೊಡ್ ವ್ಹಡ್ಲೆ ಆಂಕ್ವಾರ್‌ಪಣಾ ನ್ಹಾಣ್, ಆಯ್ಚ್ಯಾನ್ ಜಾಲೆಂ ಸಾಸಣ್ ತುಕಾ ಸಿಲ್ವಾಗೆಲೆಂ.
- ಮಾಂಯ್ಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಭಿಯೆ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಲಜೆ, ಶಾಭಾಸ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಜಿಯೆ ಘಾಲ್ಯಾಂ ಕೊಡ್ಯಾಳಾಂತ್.
- ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಕುವಾಳೊ ಕಿರೆಸ್ತ್, ದೇವ್ ಗಿರೇಸ್ತ್ ಪಿಡ್ತುಕೆಕ್ ಬೆಸಾಂವ್ ದೀಂವ್.
- ದೆವಾ ಬಾಪಾನ್ ಕೆಲಿ ಸಯ್ರಿಕ್ ಆಂಜ್ ಭಡ್ವೊ ಮ್ಹಾಲೊ, ಪವಿತ್ರ್ ಆತ್ಮೊ ಆಯ್ಲೊ ತುಮ್ಕಾಂ ಬೆಸಾಂವ್ ದೀಂವ್ಕ್.
- ಆಂಕ್ವಾರಿ ಮಾಯೇ ಸರ್ಗಾರ್ ತುಜೆ ಹಾತ್, ಬೆಸಾಂವ್ ದೀ ಸಾತ್ ತಿಚ್ಯೆ ಸರ್ಪಳೆಕ್.
- ಸನ್ವಾರಾಚೊ ದೀಸ್ ಆಯ್ತಾರಾಕ್ ಲಾಗಿಂ, ತುಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಆಜ್ ವ್ಹರೆತಾಲಾಗಿಂ.
- ಆಯ್ಚ್ಯಾನ್ ಸೊಡ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಆಂಕ್ವಾರ್‌ಪಣಾಚೊ ಫೆಸ್, ಸಾಡೊ ನ್ಹೆಸೊನ್ ನೊವ್ರ್ಯಾಸಂಗಿಂ ಸೊವ್ಯಾರ್ ಬಸ್.
- ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಲೋಕ್‌ಗಿ ರಯ್ತ್, ಕೊಸೆಸ್ ಮಾಯ್ ಸಯ್ತ್ ಜೆಜುನ್ ಯೆತಾಂ ಮ್ಹಳಾಂ.

11 ದುಖಿಂವ್ಚ್ಯಾ-ಆಕ್ಮಾನ್-ಖೊಡಿ ಕಾಡ್ಚ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ

ಆಪ್ಲ್ಯಾಂ ಮಾಲ್ಘಡಿಂ ಉತ್ತಾಂನಿ ಆನಿ ಕರ್ನಾಂನಿ ಶೀದಾ ಮನ್ಶ್ಯಾಂ. ಕಸಲ್ಯಾಯಿ ಂದರ್ಭಾಂನಿ ವಾ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ಕೊಣಾಯ್ಕಿ ಉತ್ತಾಂನಿ ದುಕಂವ್ಚೆಂ ನಾಗರಿಕಣ್ ಂಯ್. ತರೀ ಆಪ್ಲ್ಯಾಂ ಮಾಲ್ಘಡಿಂ ಕಾಂಯ್ ದಾಕ್ಲೆಣ್ ನಾಸ್ತಾನಾ ಜಾಲ್ಲೆ ನಾಸಮಾಧಾನ್, ಟಾಜಾಳ್, ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾನಾ ಶೀದಾ ಸಾಂಗೊನ್ ಸೊಡ್ತಾಲಿಂ. ದೆಕುನ್ ಕಾರ್ಯೆ ತೆಲ್ಯಾಂನಿ ಕಿತೆಂಚ್ ನಾಸಮಾಧಾನ್ ನಾಸ್ತಾನಾ ಕಾರ್ಯೆಂ ಮಾಂಡಿಜಾಯ್ ಆಸ್ಲೆಂ. ಸಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಆತಾಂ ಮ್ಹಣಾನಾಂತ್.

ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಬಾಯೆ ಕಿತ್ಯಾಕ್‌ಗೆ ವ್ರೊಗಿ. ಆಪಯ್ಲೆ ಘುಗಿ ತುಜ್ಯಾ ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್.
ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಘರಾ ಪಾಕ್ಯಾಕ್ ದೊಸ್ಲಿಂ ತಿಸ್ಲಿಂ ಬುರಾಕ್. ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಕ್ ಲಾಗ್ಲಾ ಸುರಾತ್ ಏಕ್ ಡ್ರಾಮ್ ಸೊರೊ ದಿಂವ್ಚ್ಯಾಕ್.
- ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಗಾದ್ಯಾಂತ್ ಘಾಲ್ಯಾ ದೂಧಿಣ್. ರಾಗ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್ ವಾಗಿಣ್ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್‌ಬಾಯ್.
- ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಗಾದ್ಯಾಂತ್ ಘಾಲ್ಯಾ ದುದಿಣ್. ಘರಾ ಆಸಾ ವಾಗಿಣ್ ಹೊಕ್ಲೆ ನಣಂದ್ ತುಜಿ.
- ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾಕ್ ಬಿಟಚೊ ದಾರ್ವೊಂತ್. ಘರಾ ಆಸಾ ಕೊವ್ರೊಂತ್ ಹೊಕ್ಲೆ ನಣಂದ್ ತುಜಿ.
- ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಆಮ್ಚಿ ಬಾಯ್ ಪಳೆಯ್ತಾನಾಂ ಘೊಳಿ. ತೆಚೆಂ ಖೆಲ್ಯಾ ಗುಳಿ ಜಿರ್ಗಿ ಮಿಸ್ರಾಂಗೆಚಿ.
- ಮಾಗಾ ಮಕಿಸ್ನ್ಯಾಂತ್ ಪಾವ್ಲ್ ಬಿರ್ಬಿರೊ. ದೊಳೆ ಮಿಣ್ಕಿರೊ ಆಮ್ಚೊ ಹೊರೆತ್ ಬಾಬ್.
- ಮಾಡಾ ವಯ್ಲಿ ಪ್ರೊಯ್ ಹಾಲೊನ್ ಧಲೊನ್ ಪಡಿ. ದಿವ್ನಾತ್ ಚಡ್ಲಿ ಹೊರೆತಾ ಭಯ್ಣಿಂಕ್ ತುಜ್ಯಾ

.12 ಪರ್ಗಾಂವಾಂತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಯಾಂ ಪಾಸತ್ ವೊವಿಯೊ

ಕಾಜಾರ್ ಸೊಬಾಣಾಂಕ್ ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಚಡಾವತ್ ಸೈರಿಂ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ ಯೆತಾಲಿಂ. ತರೀಘೊಡೆಪಾಪ್ಲಿಂ ಪರ್ಗಾಂವಾಕ್ ದಿಸ್ಪಡ್ಚ್ಯೊ ಗ್ರಾಸ್ ಜೊಡುಂಕ್ ಗೆಲ್ಲ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಚ್ಯಾ ಸಾಂದ್ಯಾಂಕ್ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಾಕ್ ಯೇಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾವೆಳಾರ್ ತಸಲ್ಯಾಂಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್ ವೊಪಿಯೊ ಆಸಾತ್.

- मांद्री कोवळून मांद्रेचो केलो कोवळो, मानाचो वोवळो मावळो दुबाय ऊरलोन.
- माडाची चुडेती कानाची कोवळी, मानाची व्होवळी भयण पर्गांवांत उरली.
- आमी बरयलें कागाद पावलें बेळगांवांत, ऊरलोळ पर्गांवांत व्हकले भाव तुजो.

६.१३ सेजारविर्शी वोवियो

मनीस सामाजीक जीवी. सेज–सांबाराचा परस्पर संपर्कांत, सहवासांत, समुदायां जियेता. समुदाय वा समाज सोडून एक्सुरें जियेवंक मनश्याक आसाध्य. देकून समाजें वा समुदायांत जियेताना आपल्या दिस्पडत्या जीवनाच्या गर्जांक सेजारयांसलागी वचाजायच पडता. कुटमाचे सांदे कोणी लागीं नांत तर गर्जे आकांतावेळार पयले मेळचो आदार सेजारयांसचो. काजारी जोड्याक सेजारयांजलागीं मोगान, बरया संबंधां एकवटान जियेवंक संदेश ह्या वोवियांनी आसा.

- आयिल्ल्या सयऱ्यांक, बरे म्हणोन होगळ, शेजारी मोगाळ, तुज्या गुणांखाल.
- गागा म्हळ्यार, सांगश्यात म्हजें नांव, भश्र्यात सगळो गांव, गाजवन कितें हांव.
- नारलाचो रोस दिसता आपूट धवो, कुटमासंगीं उरों शाश्वीत एकवट तुजो.
- मुकल्या बागलार म्हाका पाटल्या बागलार तुका, दोकोर कुंकाड आयल्यार झगड करिनाका.
- आल्तोडिच्यान म्हाका पल्तोडिच्यान तुका, अपरूप वाटेर म्हेळ्ळयार उलवंक उबगानाका.

६.१४ कुटमा जीवनाक निर्देशन दिंवच्यो वोवियो

आदल्या काळार काजारी संबंध चडावत सैरीक सोदून घडताले. चडावत चलियेक पयशिल्या गांवच्या चल्याक काजार कर्न दिंवचें आसल्लें. कुटमांनी जोड कुटमां पद्ध आसल्ल्यावर्वी नव्या होकलेक पयशिल्या गांवांत नवऱ्याच्या घरा मांव, सासुमांय, नंड नंडायो, देर, जाजावो म्हणोन जायतीं जणां आसतालीं.ह्या सर्वां सांगाता मनासतापाव लडायेक, गुस्पाडायेक, शिकवण्यांक, आस्पद दीनासताना होकलेन सोडदोड कर्न सोसणिकायेन, सुदार्सून, होंद्दोन जियेवंक शिकजाय. तशेंच होरेतानयी हाका सहक दीवंक जाय. दोनी कुटमांचो संबंध बरो दवरुंक आसा. हें सगळें ह्या वोवियांनी कळी जाता.

चल्याक–

- काजार जालोय म्हण व्हड जायनाका, आवय बापायक व्हरेता सांडून घालिनाका.
- भितर घाल्ली मांद्री भायर वोडिनाका, काजार जालाय देकून व्हडिलांक केंडिनाका.
- लागीं मांवाडो म्हणोन व्हरेता सदां वचानाका, कांडी बोंडी रांदून वाडल्यार घ येवन सांगानाका.

ಮಾಂದ್ರಿ ಕೊವ್ಚುನ್ ಮಾಂದ್ರೆಚೊ ಕೆಲೊ ಕೊವ್ಚ್ಯೊ ಮಾನಾಚೊ ವೊವ್ಚ್ಯೊ ಮಾವ್ಚ್ಯೊ ದುಬಾಯ್ ಉರ್ಲ್ಯೊ
ಮಾಡಾಚಿ ಚುಡೆತಿ ಕಾನಾಚಿ ಕೊವ್ಳಿ ಮಾನಾಚಿ ವ್ಹೊವ್ಳಿ ಭಯ್ಣ್ ಪರ್ಗಾಂವಾಂತ್ ಉರ್ಲಿ.
ಆಮಿ ಬರಯ್ಲ್ಲಿಂ ಕಾಗಾದ್ ಪಾವ್ಲೆಂ ಬೆಳ್ಗಾಂವಾಂತ್, ಉರ್ಲ್ಯೊ ಪರ್ಗಾಂವಾಂತ್ ವ್ಹಲ್ಲೆ ಭಾವ್ ತುಜೊ.

13 ಸೆಜಾರಾವಿಶಿಂ ವೊವಿಯೊ

ಮನಿಸ್ ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಜೀವಿ. ಸೆಜ್-ಸಾಂಬಾರಾಚ್ಯಾ ಪರಸ್ಪರ್ ಸಂಪರ್ಕಾಂತ್, ಸವಾಸಾಂತ್, ಸಮುದಾಯಾಂತ್ ಜಿಯೆತಾ. ಸಮುದಾಯ್ ವಾ ಸಮಾಜ್ ಸೊಡುನ್ ಕುರೆಂ ಜಿಯೆಂವ್ಕ್ ಮನ್ಶ್ಯಾಕ್ ಅಸಾಧ್ಯ್. ದೆಕುನ್ ಸಮಾಜೆಂತ್ ವಾ ಸಮುದಾಯಾಂತ್ ಯೆತಾನಾ ಅಪ್ಲ್ಯಾ ದಿಸ್ಪಡ್ತ್ಯಾ ಜೀವನಾಚ್ಯಾ ಗರ್ಜಾಂಕ್ ಸೆಜಾರ್ಯಾಂಲಾಗಿಂ ವಚಾಜಾಯ್‌ಚ್ ಪಡ್ತಾ. ಕುಟ್ಮಾಚೆ ಸಾಂದೆ ಕೊಣೀ ಲಾಗಿಂ ನಾಂತ್ ತರ್ ಗರ್ಜೆ ಆಕಾಂತಾವೆಳಾರ್ ಪಯ್ಲೆಂ ಮೆಳ್ಚೊ ಆದಾರ್ ಸೆಜಾರ್ಯಾಂಚೊ. ಕಾಜಾರಿ ಜೊಡ್ಯಾಕ್ ಸೆಜಾರ್ಯಾಂಲಾಗಿಂ ಮೊಗಾನ್, ಬರ್ಯಾ ಸಂಬಂಧಾಂತ್, ಎಕ್ಸ್ಟಾನ್ ಜಿಯೆಂವ್ಕ್ ಸಂದೇಶ್ ಹ್ಯಾ ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಆಸಾ.

- ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್, ಬರೆ ಮ್ಹಣೊನ್ ಹೊಗಳ್, ಶೆಜಾರಿ ಮೊಗಾಳ್, ತುಜ್ಯಾ ಗುಣಾಂಖಾಲ್.
- ಗಾಗಾ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್, ಸಾಂಗ್ತ್ಯಾತ್ ಮ್ಹಜೆಂ ನಾಂವ್, ಭರ್ಶ್ಯಾತ್ ಸಗ್ಳೊ ಗಾಂವ್, ಗಾಜವ್ನ್ ಕಿತೆಂ ಹಾಂವ್.
- ನಾರ್ಲಾಚೊ ರೋಸ್ ದಿಸ್ತಾ ಆಪ್ರುಟ್ ಧವ್ರೊ. ಕುಟ್ಮಾಸಂಗಿಂ ಉರೊಂ ಶಾಶ್ವಿತ್ ಎಕ್ವಟ್ ತುಜೊ.
- ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಬಾಗ್ಲಾರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ಬಾಗ್ಲಾರ್ ತುಕಾ. ದೊಕೊರ್ ಕುಂಕಾಡ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಝುಗ್ಡೆಂ ಕರಿನಾಕಾ.
- ಆಲ್ತೊಡಿಚ್ಯಾನ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಪಲ್ತೊಡಿಚ್ಯಾನ್ ತುಕಾ. ಅಪ್ರೂಪ್ ವಾಟೆರ್ ಮ್ಹೆಳ್ಯಾರ್ ಉಲಂವ್ಕ್ ಉಬ್ಗಾನಾಕಾ.

.14 ಕುಟ್ಮಾ ಜೀವನಾಕ್ ನಿರ್ದೇಶನ್ ದಿಂವ್ಚ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ

ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಕಾಜಾರಿ ಸಂಬಂಧ್ ಚಡಾವತ್ ಸ್ಥಿರ್ ಸೊದುನ್ ಘಡ್ತಾಲೆ. ಚಡಾವತ್ ಚಲಿಯೆಕ್ ಪಯ್ಶಿಲ್ಯಾ ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಚಲ್ಯಾಕ್ ಕಾಜಾರ್ ಕರ್ನ್ ದಿಂವ್ಚೆಂ ಆಸ್ಲೆಂ. ಕುಟ್ಮಾಂನಿ ಜೋಡ್ ಕುಟ್ಮಾಂ ಪದ್ಧತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾವರ್ವಿಂ ನವ್ರ್ಯಾ ಚೆರ್ಕೆಕ್ ಪಯ್ಶಿಲ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್ ನವ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮಾಂವ್, ಸಾಸುಮಾಂಯ್, ನಂಣ್ದೊ, ನಂಣ್ದಾಯೊ, ದೇರ್, ಜಾಜಾವೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ಜಾಯ್ತಿಂ ಜಣಾಂ ಆಸ್ತಾಲಿಂ. ಹ್ಯಾ ಸರ್ವಾಂ ಸಾಂಗಾತಾ ಮನಾಸ್ತಾಪಾಕ್, ಝಗ್ಡಾಯೆಕ್, ಗುಸ್ಪಾಡಾಯೆಕ್, ಶಿಕವ್ಣ್ಯಾಂಕ್, ಆಸ್ವದ್ ದೀನಾಸ್ತಾನಾ ಚೆರ್ಕೆನ್ ಸೊಡ್‌ದೊಡ್ ಕರ್ನ್, ಸೊಸ್ಣಿಕಾಯೆನ್, ಸುವಾಸ್ತಿನ್, ಝೊಂದ್ವ್ನ್ ಜಿಯೆಂವ್ಕ್ ಶಿಕಜಾಯ್. ತಶೆಂಚ್ ಮೊರೆತಾನ್ಯೀ ಹಾಕಾ ಸಹಕಾರ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್. ದೊನೀ ಕುಟ್ಮಾಂಚೊ ಸಂಬಂಧ್ ಬರೊ ದವರುಂಕ್ ಆಸಾ. ಹೆಂ ಸಗ್ಳೆಂ ಹ್ಯಾ ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಕಳಿತ್ ಜಾತಾ.

ಚಲ್ಯಾಕ್-

- ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲೊಯ್ ಮ್ಹಣ್ ವ್ಹಡ್ ಜಾಯ್ನಾಕಾ. ಆವಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ವ್ಹರೆತಾ ಸಾಂಡುನ್ ಘಾಲಿನಾಕಾ.
- ಭಿತರ್ ಘಾಲ್ಲಿ ಮಾಂದ್ರಿ ಭಾಯ್ರ್ ವ್ಹೊಡಿನಾಕಾ. ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲಾಯ್ ದೆಕುನ್ ವ್ಹಡಿಲಾಂಕ್ ಕೆಂಡಿನಾಕಾ.
- ಲಾಗಿಂ ಮಾಂವಾಡೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ವ್ಹರೆತಾ ಸದಾಂ ವಚಾನಾಕಾ. ಕಾಂಡಿ ಜೊಂಡಿ ರಾಂದುನ್ ವಾಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಘರಾ ಯೇವ್ನ್ ಸಾಂಗಾನಾಕಾ.

चलियेक –

- दोगी तेगी जाजावो बसोन माऱ्यां उवो, आयच्यान जाल्यांव धुवो एक्ये आवयिच्यो.
- व्हडिलांनी सांगलां आमकां, आमी सांग्तांव तुका, न्याय झगडें नाका आमकां जाजावांक.
- रोस्यांच्ये रांदणी कट्ट्यांचो फोग, विस्रोनाका मोग तुज्ये आवयिचो.
- सक्कड काम कर्न मागीर चिक्के बस, मांय मांवाकडे विचार्न कुळारा येवन वच.
- आयिल्ल्या सयऱ्यांकडेन बरें कर्न उलय, उत्रांनी भुलय व्हरेताच्या कुटमाक.
- पोरूं लायलें झाड आंवदूं उरलें ताड, कांय चड उणें जाल्यार कुळारा सांगोन धाड.
- तळ्यांतली मासळी चिळिपिळी उडताली, मित्यो मार्ताली होकाल काजाराक.
- तळ्या माडाचें मडल कोयत्यान बेंडिनाका, व्हरेताच्या कुटमाक फाल्यां केंडिनाका.
- वालिंतलो बेल कोयतेन बेंडिनाका, विंगड राव्यां म्हण व्हरेताक शिकयनाका.
- मांयक पळेवन भिये होकले मांवाक पळेवन लजे, शाभास म्हणोन जिये फाल्यां कोड्याळांत.

६.१५ समाजीक परिगत कळोंवच्यो वोवियो

आदल्या काळार कुटमां कृषी प्रधान जाल्लेवर्वीं, सागोळे खातीर घरा जवाब्दारेचीं मनश्यां आसचे खातीर चल्यांक सत्रा वर्सां आनी चलियांक चवदा वर्सांच्या लान प्रायेरच काजार कर्ताले. विद्धिक समाजीक व्यवस्थेंत आवकास नातल्लो, सांगाताच जाती वर्ग सूचन कर्चें, दोतिचो देंवचार, चलो आनी चलिये मधें थर कर्ची परिस्थिती, समाजेंत आसल्लें चित्रण ह्या सकयल्या वोवियांनी मेळता.

- आमच्या हितलांत आंब्याची ससी, फुटोवंक ना मिशी व्हकले व्हरेताक तुज्या.
- मासाक मारलो कोयतो, उसळ्ळें हाड, पुटोंक ना खाड आमच्या होरेताक.
- एक शेर वाटून वोतलें आमी तोंद्रा, वर्सां जालीं पंद्रा आमच्या होकलेक.
- आंब्यार जालें तोर आनी बोरीक जालें बोर, व्हकाल नेणतें पोर, व्हरेता जतन कर.
- सकाळीं रांदल्ली पेज सांजेर जाली शेळी, जनेलांतल्यान तिळी होकले आवय तुजी.
- पुत्तूरचां पेंटेंत विकुंक घाला पोव, तुका ना घोव तूं वगेच्च राव.
- दऱ्याच्या लारा उबोन गेली खोली, फिदाल्लांची चली आमची व्हकाल बाय.
- होरेता बाबा थोडो नेस दोडी, दोत थोडी तरी होकल कुळियेन बरी.
- आयिल्ले माले, पाट पर्तोन गेले, पांयशी रुपय चडोवन आजियेन आपोयिले.
- पांयांक लायलीं चिनेलां, वोणटीक मारलीं पायनेलां, दोत भायर वचोंक सोडलिनां होकल्ले आवयन तुज्या.
- बेंतिणिची दोरी काळिगी गोरी, दोत थोडी जाल्यारी होकाल मेळ्ळी बोरी.
- बारा वराहा दोत होरेताच्या मानाक, होकलेच्या गुणांक आमी सयरीक केली.
- आमच्या हितलांत लायल्या दुदीण, भुर्ग्याबुदीन दोगांय काजार जालीं.
- हाडांक मारुंक कोयती मासाक घालुंक शिर्को, पयलो जांव चेर्को आमच्या होकलेक.

..ಯೆಕ್ –

- ದೊಗಿ ತೆಗಿ ಜಾಜಾವ್ರೊ ಬಸೊನ್ ಮಾರ್ಯಾಂ ಉವ್ರೋ, ಆಯ್ಬ್ಯಾನ್ ಜಾಲ್ಯಾಂವ್ ಧುವ್ರೋ ಎಕ್ಯೆ ಆವಯಿಚ್ಯೊ
- ವ್ಹಡಿಲಾಂನಿ ಸಾಂಗ್ಲಾಂ ಆಮ್ಕಾಂ, ಆಮಿ ಸಾಂಗ್ತಾಂವ್ ತುಕಾ, ನ್ಯಾಯ್ ಝುಗ್ಡೆಂ ನಾಕಾ ಆಮ್ಕಾಂ ಜಾಜಾವಾಂಕ್.
- ರೊಸ್ಯಾಂಚ್ಯೆ ರಾಂದ್ಲಿ ಕಟ್ಬ್ಯಾಂಚೊ ಫೊಗ್, ವಿಸ್ರೊನಾಕಾ ಮೋಗ್ ತುಜ್ಯೆ ಆವಯಿಚೊ.
- ಸಕ್ಡ್ ಕಾಮ್ ಕರ್ನ್ ಮಾಗಿರ್ ಚೆಕ್ಕೆ ಬಸ್, ಮಾಂಯ್ ಮಾಂವಾಕಡೆ ವಿಚಾರ್ನ್ ಕುಳಾರಾ ಯೇವ್ನ್ ವಚ್.
- ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕಡೆನ್ ಬರೆಂ ಕರ್ನ್ ಉಲಯ್, ಉತ್ರಾಂನಿ ಭುಲಯ್ ವ್ಹರೆತಾಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಕ್.

ಪ್ರೊಯು ಲಾಯ್ಲೆಂ ಝಾಡ್ ಆಂವ್ದಂ ಉರ್ಲೆಂ ತಾಡ್, ಕಾಂಯ್ ಚಡ್ ಉಣೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಕುಳಾರಾ ಸಾಂಗೊನ್ ಧಾಡ್.

ತಳ್ಯಾಂತ್ಲಿ ಮಾಸ್ಳಿ ಚೆಳಿಪಿಳಿ ಉಡ್ತಾಲಿ, ಮಿಟ್ಯೊ ಮಾತರ್ಲಿ ಹೊಕಾಲ್ ಕಾಜಾರಾಕ್.

ತಳ್ಯಾ ಮಾಡಾಚೆಂ ಮಡಲ್ ಕೊಯ್ತ್ಯಾನ್ ಬೆಂಡಿನಾಕಾ, ವ್ಹರೆತಾಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಕ್ ಫಾಲ್ಯಾಂ ಕೆಂಡಿನಾಕಾ.

ವಾಲಿಂತ್ಲೊ ಬೇಲ್ ಕೊಯ್ತೆನ್ ಬೆಂಡಿನಾಕಾ, ವಿಂಗಡ್ ರಾವ್ಯಾಂ ಮ್ಹಣ್ ವ್ಹರೆತಾಕ್ ಶಿಕಯ್ನಾಕಾ.

ಮಾಂಯ್ಗ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಭಿಯೆ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಲಜೆ, ಶಾಭಾಸ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಜಿಯೆ ಫಾಲ್ಯಾಂ ಕೊಡ್ಯಾಳಾಂತ್.

15 ಸಮಾಜಿಕ್ ಪರಿಗತ್ ಕಳೊಂವ್ಚ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ

ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಕುಟ್ಮಾಂ ಕೃಷಿ ಪ್ರಧಾನ್ ಜಾಲ್ಲೆವರ್ವಿಂ, ಸಾಗೊಳೆ ಖಾತಿರ್ ಘರಾ ..ವಾಚ್ಯಾರಚೆಂ ಮನ್ಸ್ಯಾಂ ಆಸ್ಚೆ ಖಾತಿರ್ ಚಲ್ಯಾಂಕ್ ಸತ್ರಾ ವರ್ಸಾಂ ಆನಿ ಚಲಿಯಾಂಕ್ ಚವ್ದಾ ..ರ್ಸಾಂಚ್ಯಾ ಲಾನ್ ಪ್ರಾಯೆರ್ಚ್ ಕಾಜಾರ್ ಕರ್ತಾಲೆ. ಪಿದ್ದ್ಯಾಂಕ್ ಸಮಾಜಿಕ್ ವ್ಯವಸ್ಥೆಂತ್ ..ವ್ಕಾಸ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೊ. ಸಾಂಗಾತಾಚ್ ಜಾತಿ ವರ್ಗ್ ಸೂಚನ್ ಕರ್ಚೆಂ. ದೊತಿಚೊ ದೆಂವ್ಚಾರ್. ..ಲೊ ಆನಿ ಚಲಿಯೆ ಮಧೆಂ ಥರ್ ಕರ್ಚೆ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ. ಸಮಾಜೆಂತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ಚಿತ್ರಣ್ ಹ್ಯಾ ..ಕಯ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂನಿ ಮೆಳ್ತಾ.

- ಆಮ್ಚ್ಯಾ ರಿಂತ್ಲಾಂತ್ ಆಂಬ್ಯಾಚಿ ಸೆಸ್, ಫುಟೊಂವ್ಕ್ ನಾ ಮಿಶಿ ವ್ಹಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ
- ಮಾಸಾಕ್ ಮಾರ್ಲೊ ಕೊಯ್ತೊ ಉಸಳ್ಳೆಂ ಹಾಡ್, ಫುಟೊಂಕ್ ನಾ ಖಾಡ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಕ್.
- ಏಕ್ ಶೆರ್ ವಾಟುನ್ ವ್ರೊತ್ಲೆಂ ಆಮಿ ತೊಂದ್ರಾ, ವರ್ಸಾಂ ಜಾಲಿಂ ಪಂದ್ರಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.
- ಆಂಬ್ಯಾರ್ ಜಾಲೆಂ ತೋರ್ ಆನಿ ಬೋರಿಕ್ ಜಾಲೆಂ ಬೋರ್. ವ್ಹಾಲ್ ನೆಸ್ತೆಂ ಪ್ರೋರ್. ವ್ಹರೆತಾ ಜತನ್ ಕರ್.
- ಸಕಾಳಿಂ ರಾಂದ್‌ಲ್ಲಿ ಪೇಜ್ ಸಾಂಜೆರ್ ಜಾಲಿ ಶೆಳಿ. ಜನೆಲಾಂತ್ಲ್ಯಾನ್ ತಿಳಿ ಹೊಕ್ಲೆ ಆವಯ್ ತುಜಿ.
- ಪ್ರುತ್ತುರ್ಚ್ಯಾ ಪೆಂಟೆಂತ್ ವಿಕುಂಕ್ ಫಾಲಾ ಪ್ರೊವ್. ತುಕಾ ನಾ ಘೊವ್ ತುಂ ವಗೆಚ್ ರಾವ್.
- ದರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಲಾರಾ ಉಬೊನ್ ಗೆಲಿ ಖೊಲಿ. ಫಿದಾಲ್ಲಾಂಚಿ ಚಲಿ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಾಲ್ ಬಾಯ್.
- ಹೊರೆತಾ ಬಾಬಾ ಘೊಡೊ ನೆಸ್ ದೊಡಿ. ದೋತ್ ಘೊಡಿ ತರಿ ಹೊಕಲ್ ಕುಳಿಯೆನ್ ಬರಿ.
- ಆಯಿಲ್ಲೆ ಮಾಲೆ. ಪಾಟ್ ಪರ್ತೊನ್ ಗೆಲೆ. ಪಾಂಯ್ಶಿ ರುಪಯ್ ಚಡೊವ್ನ್ ಆಜಿಯೆನ್ ಆಪ್ರೊಯಿಲೆ.
- ಪಾಂಯಾಂಕ್ ಲಾಯ್ಲಿಂ ಚೆನೆಲಾಂ. ವ್ರೊಸ್ಟೆಕ್ ಮಾರ್ಲಿಂ ಪಾಯ್ನೆಲಾಂ. ದೋತ್ ಭಾಯ್ರ್ ವಚೊಂಕ್ ಸೊಡ್ಲಿನಾಂ ಹೊಕ್ಲೆ ಆವಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ
- ಬೆಂತಿಣೆಚಿ ದೊರಿ ಕಾಳಿಗಿ ಗೊರಿ. ದೋತ್ ಘೊಡಿ ಜಾಲ್ಯಾರೀ ಹೊಕಾಲ್ ಮೆಳ್ಳಿ ಬೊರಿ.
- ಬಾರಾ ವರಾಹಾ ದೋತ್ ಹೊರೆತಾಚ್ಯಾ ಮಾನಾಕ್. ಹೊಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಗುಣಾಂಕ್ ಆಮಿ ಸಯ್ರಿಕ್ ಕೆಲಿ.
- ಆಮ್ಚ್ಯಾ ರಿಂತ್ಲಾಂತ್ ಲಾಯ್ಲ್ಯಾ ದುದಿಸ್. ಭುರ್ಗ್ಯಾಬುದಿನ್ ದೊಗಾಂಯ್ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲಿಂ.
- ಹಾಡಾಂಕ್ ಮಾರುಂಕ್ ಕೊಯ್ತಿ ಮಾಸಾಕ್ ಫಾಲುಂಕ್ ಶಿರ್ಕೊ. ಪಯ್ಲೊ ಜಾಂವ್ ಚೆರ್ಕೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.

६.१६ आर्थीक परिस्थिती आनी वोवियो

आमच्ये मालघडे कृषी प्रधान व्याप्तेचे. कोंकणी कातोलीक क्रिसतांव कृषें हेळल्ले आनी मिनत कर्चे म्हण समजोन गोंयांथावन मंगळुराक आयिल्ल्या क्रिसतांवां कोंकण करावळेच्या तुंडू रायांनी, आसतिदारांनी तांच्या शेतांनी गेणीक घोळों आवकास दिलो. कोंकणी कातोलीक क्रिसतांव धनियाक गेण दीवन मिनत काडन तां जीवन सारताळलीं.

त्या काळार कुटमांत भुर्ग्यांचो संखो चड आसल्लेवर्वीं तांकां पोसच्याखाती दिस्पडतें चडीत मिनत करिजाय पडताली. काम ना जाल्यार जेवंक ना म्हळ्ळ परिस्थिती आसल्ली. ह्या वेळार तांच्या मुखल्या जीवनाक कांय तरी उरंवचें त्रासा जाल्लें. चली भुर्ग्याक काजार करिजाय जाल्यार दोतिचो देंवचार तांकां दोसतालो. हां मधें कांय थोडे बोटांनी मेजचे तितले ग्रेसत कोंकणी क्रिसतांव आसल्ले. आसल आर्थीक परिस्थिती ह्या सकयल्या वोवियांनी दिसोन येता.

- एक रुपोय दिलो, सुता अनी सुवेक, येज्मान काजार करता मालघाड्या धुवेक.
- कासान कासायलें रुवेन पुंजायलें, सक्कड खर्चोन गेलें धुवेच्या काजाराक.
- बायेक काजार म्हण पाटली भयण हासता, दुडवांनी कुसता व्हकले मांव तुजो.
- पावसच्च येवून उदाक जालें व्हाळा, कषटांत पडलो बाळा बापय तुजो.
- पायांक घालिना व्हाण, पोटाक खेलें ना खाण, आसें केलें धन व्हकले बापायन तुज्या.
- बारा पावटीं उटलो येज्मान बारा पावटीं बसलो, साडो मोलायताना मुंडू ताचे सुटलो.
- प्रायेन ल्हान व्हरेत दाडीन वाडलो, दुडवाचे आशेक बापायन फोरीन धाडलो.
- व्हरेताचें घर माडामाड्यांत, व्हरेतान जोडल्लो दुडू कोरोल्यां साडियेंक.
- दाळिच्या साराक येज्मानीन दिलें पोण्ण, धुवेच्या काजाराक बापायन काडलें रीण.
- उघडली पेट पर्मळली कसतूर, रायांगेली दसतूर आमचायेज्मान्याची.

६.१७ इतिहासांतल्या घडितां विषयांतल्यो वोवियो

आमच्या मालघड्यांक शिकाप नातल्लें तरी इतिहासा विषयांत बरिच्च समजणी आसल्ली. ह्यो संगती आमच्या वोवियांनी आमकां आयकोंक मेळतात.

- टिप्पूक आनी इंगलेजांक जाली ती लडाय, बोमगाळे घडाय ह्या वोजां वयर.
- इक्केरिची राणी चेन्नम्म झजांत घट, मांवा मुकार होकले चुकोनी मारिनाका फट.

६.१८ हेर भासेंचे सब्द वापारल्ल्यो वोवियो

कोंकणी संसकृतेच्या लोकवेद साहित्यांत कोंकणेचें अपूर्व सब्दां भंडारच लिपोन आसा. भोव नाजूक तशेंच अपूट कोंकणी सब्द ह्या साहित्यांत आमकां धाराळ मापान वाचुंक मेळतात. अदल्या वोवियांनी असले नाजूक कोंकणी सब्द आनी प्रास आसचे

ಆರ್ಥಿಕ್ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಆನಿ ವೊವಿಯೊ

ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡೆ ಕೃಷಿ ಪ್ರಧಾನ್ ವ್ಯಾಪ್ತೆಚೆ.ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಕೃಷೆಂತ್ ಲ್ಲೆ ಆಸಿ ಮಿನತ್ ಕರ್ಚೆ ಮ್ಹಣ್ ಸಮ್ಜೊನ್ ಗೊಂಯಾಂಥಾವ್ನ್ ಮಂಗ್ಳುರಾಕ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಂವಾಂಕ್ ಕೊಂಕಣ್ ಕರಾವಳೆಚ್ಯಾ ತುಂಡು ರಾಯಾಂನಿ, ಆಸ್ತಿದಾರಾಂನಿ ತಾಂಚ್ಯಾ ಂನಿ ಗೆಣಿಕ್ ಘೊಳೊಂಕ್ ಆವ್ಕಾಸ್ ದಿಲೊ.ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಧನಿಯಾಕ್ ್ ದೀವ್ನ್ ಮಿನತ್ ಕಾಡ್ನ್ ತಾಂಚೆಂ ಜೀವನ್ ಸಾರ್ತಾಲಿಂ.

ತ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಕುಟ್ಮಾಂತ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಚೊ ಸಂಖೊ ಚಡ್ ಆಸ್ಲ್ಲೆವರ್ವಿಂ ತಾಂಕಾಂ ಸ್ಟ್ಯಾಖಾತಿರ್, ದಿಸ್ಪಡ್ತೆಂ ಚಡಿತ್ ಮಿನತ್ ಕರಿಜಾಯ್ ಪಡ್ತಾಲಿ. ಕಾಮ್ ನಾ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ವ್ಕ್ ನಾ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಆಸ್ಲ್ಲಿ. ಹ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ತಾಂಚ್ಯಾ ಮುಖ್ಲ್ಯಾ ಜೀವನಾಕ್ ಯ್ ತರೀ ಉರಂವ್ಚೆಂ ತ್ರಾಸಾಚೆಂ ಜಾಲ್ಲೆಂ. ಚಲಿ ಭುರ್ಗ್ಯಾಕ್ ಕಾಜಾರ್ ಕರಿಜಾಯ್ ಲ್ಯಾರ್ ದೊತಿಚೊ ದೆಂವ್ಚ್ಯಾರ್ ತಾಂಕಾಂ ದೊಸ್ತಾಲೊ. ಹಾಂಚೆ ಮಧೆಂ ಕಾಂಯ್ ಥೊಡೆ ಟಾಂನಿ ಮೆಜ್ಜೆ ತಿತ್ಲೆ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಆಸ್ಲ್ಲೆ. ಆಸಲಿ ಆರ್ಥಿಕ್ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಹ್ಯಾ ಯ್ಲ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂನಿ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾ.

ಏಕ್ ರುಪೊಯ್ ದಿಲೊ, ಸುತಾ ಅನಿ ಸುವೆಕ್, ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಕಾಜಾರ್ ಕರ್ತಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾ ಧುವೆಕ್.
ಕಾಸಾನ್ ಕಾಸಾಯ್ಲೊಂ ರುವೆಸ್ ಪುಂಜಾಯ್ಲೊಂ, ಸ್ಕಡ್ ಖರ್ಚೊನ್ ಗೆಲೆಂ ಧುವೆಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್.
ಬಾಯೆಕ್ ಕಾಜಾರ್ ಮ್ಹಣ್ ಪಾಟ್ಲೆ ಭಯ್ಣಿ ಹಾಸ್ತಾ ದುಡ್ವಾಂನಿ ಕುಸ್ತಾ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂವ್ ತುಜೊ.
ಪಾವ್ಸ್ಚ್ಯೆ ಯೆವ್ನ್ ಉದಾಕ್ ಜಾಲೆಂ ವ್ಹಾಳಾ, ಕಷ್ಟಾಂತ್ ಪಡ್ಲೊ ಬಾಳಾ ಬಾಪಯ್ ತುಜೊ.
ಪಾಯಾಂಕ್ ಘಾಲಿನಾ ವ್ಹಾಣ್, ಪೊಟಾಕ್ ಖೆಲೆಂ ನಾ ಖಾಣ್, ಆಸೆಂ ಕೆಲೆಂ ಧನ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ
ಬಾರಾ ಪಾಷ್ಪಿಂ ಉಟ್ಲೊ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಬಾರಾ ಪಾಷ್ಪಿಂ ಬಸ್ಲೊ, ಸಾಡೊ ಮೊಲಾಯ್ತಾನಾ ಮುಂದು ತಾಚೊ ಸುಟ್ಲೊ
ಪ್ರಾಯೆನ್ ಲ್ಹಾನ್ ವ್ಹರತ್ ದಾಡಿನ್ ವಾಡ್ಲೊ, ದುಡ್ವಾಚೆ ಆಶೆಕ್ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ಪ್ರೆರಿನ್ ಧಾಡ್ಲೊ
ವ್ಹರತಾಚೆಂ ಘರ್ ಮಾಡಾಮಾಡ್ಯೆಂತ್, ವ್ಹರತಾನ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲೊ ದುಡು ಕೊರೊಲ್ಯಾಂ ಸಾಡಿಯೆಂಕ್.
ದಾಳಿಚ್ಯಾ ಸಾರಾಕ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿನ್ ದಿಲೆಂ ಪ್ರೊಣ್ಣ್, ಧುವೆಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ಕಾಡ್ಲೆಂ ರೀಣ್.
ಉಘಡಲಿ ಪೆಟ್ ಪರ್ಮಳಲಿ ಕಸ್ತುರ್, ರಾಯಾಂಗೆಲಿ ದಸ್ತುರ್ ಆಮ್ಚಾ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಚಿ.

17 ಇತಿಹಾಸಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಘಡಿತಾಂ ವಿಷ್ಯಾಂತ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ

ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಕ್ ಶಿಕಾಪ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ತರೀ ಇತಿಹಾಸಾ ವಿಷ್ಯಾಂತ್ ಬರಿಚ್ ಮ್ಹಣೆ ಆಸ್ಲ್ಲಿ. ಹ್ಯೊ ಸಂಗ್ತಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂನಿ ಆಮ್ಕಾಂ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾತ್.

ಟಿಪ್ಪುಕ್ ಆನಿ ಇಂಗ್ಲೆಜಾಂಕ್ ಜಾಲಿ ತಿ ಲಡಾಯ್, ಬೊಮ್ಮಾಗ್ಗೆ ಘಡಾಯ್ ಹ್ಯಾ ವೊಜಾಂ ವಯ್ರ್.
ಇಕ್ಕೇರಿಚಿ ರಾಣಿ ಚೆನ್ನಮ್ಮ ಝುಜಾಂತ್ ಘಟ್, ಮಾಂವಾ ಮುಕಾರ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಚುಕೊನಿ ಮಾರಿನಾಕಾ ಘಟ್.

18 ಹೆರ್ ಭಾಶೆಂಚಿ ಸಬ್ದ್ ವಾಪಾರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ

ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚ್ಯಾ ಲೋಕ್‌ವೆದ್ ಸಾಹಿತ್ಯಾಂತ್ ಕೊಂಕ್ಣೆಚೆಂ ಅಪೂರ್ವ್ ಸಬ್ದಾಂ ಂಡಾರ್‌ಚ್ ಲಿಪೊನ್ ಆಸಾ. ಭೋವ್ ನಾಜೂಕ್ ತಶೆಂಚ್ ಅಪ್ರುಟ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಬ್ದ್ ಹ್ಯಾ ಾಹಿತ್ಯಾಂತ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಧಾರಾಳ್ ಮಾಪಾನ್ ವಾಚುಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾತ್. ಅದ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂನಿ

आमकां कळता. तरी आजकाल कोंकणेंत प्रासभरीत सब्दांभंडार नातल्ल्याबरीं प्रास खातीर तुळवेचे, कन्नडाचे, इंगलीषाचे आनी हिंदेचे सब्द वापार्न वोवियो म्हणचें आयच्य काजार सोबाणांनी आमकां दिसता. ह्या वर्वीं कोंकणी साहित्य आनी संसकृतेचो विका आनी अपभ्रंश जाता म्हळ्ळें ह्या सकयल्या वोवियांनी कळता.

- कन्नडान रांद्वयेक म्हणतात तर्कारी, सदां पुर्पुरी होकले मांय तुजी.
- इंगलीष भाशेन पयश्यांक म्हणतात मनी, सक्कड भांगारा बराबर व्हरेतार्च करियामणी.
- तुळव्ये भाषेन कुरलेक म्हणतात देंजी, भोव आसा नंजी व्हरेता मिवणे तुजे.
- तुळव्यां भाशेन मिर्सांगेक म्हणतात मुंची, करियमणी उंची व्हकले व्हरेताची.
- तुळव्ये भाषेन मुसकाक म्हणतात नुर्गे, विस्रोंचें न्हंय भुर्गें आमचें होकाल बाय.
- तुळव्ये भाषेन कुळटाक म्हणतात कुडू, कळश्येन मेजला दुडू होकले बापायन तुज्या.
- तुळवे भाषेन दुडवाक म्हणतात कास, इल्लें आयलां मास आमच्य होकलेक.

६.१९ विकार वोवियो आनी आर्थ नातल्ल्यो वोवियो

मालघड्यांनी घडल्ल्या वोवियांनी भोव आपुरबायेचें कोंकणी उत्रां भंडार, प्रास, छंदस आनी आर्थ संपूर्ण रितीन मिसळोन आसा तें आमकां दिसता. पूण ह्यो सकयल्यो थोड्यो वोवियो विशलेषण केल्यार, कळोन येताकी सांपरदायीक वोवियांचें रूप, प्रकार आनी प्रास हांतूं नांत. ह्या वोवियांत सार्को आर्‌यी मेळाना. जावंक पुरो एकच तोंडपाशीं वोवियो एका तोंडा थावन अन्येका तोंडाक पाशार जाताना सब्द विस्रोन, मूळ सब्द बदलोन अर्थारहीत जाल्यात वा वोवियांच्या आमूल्य साहित्याची जाण्वाय नातल्ल्यांनी ह्यो वोवियो घडल्लेबरीं दिसता. दाकल्याक,

- वीस वर्सां भरलीं व्हरेता तुज्या आंगीं, आज जाली खुशी तुका काजार जांवची.
- आपरोस रोस बांकार तीनां बोरो, मनान धादोशी होकले आवय तुजी,
- हाड येज्मान्या व्हरेताची तोडोप, तोडपीक लायल्या जरकायी भांगाराची.
- पयल्येची जाव आणो म्हणोन दूसऱ्येची जाव पावली, तीसऱ्येची जाव चंद्र सूऱ्यो.

वयल्यो वोवियो विशलेषण केल्यार हांतूं प्रास, अलंकार आनी छंदस, ताळ दिसाना. देकून वोवियांचें रूप हांतूं विकारलां?.

- पयल्येचें नांव रोजलीन, दूसऱ्येचें नांव आंजेलीन, तीसऱ्येचें नांव जाकीन.
- मांय आसकत सून वेंगभर, पांपाळ्यान येता मांयचो हात धर.
- आयश्यांचें सोडलें लक्षांचीं न्हेसली, रेगां गेलिशी दिसली आमची होकाल बाय.
- उबार घर सकयल पाकेटी, घराक जोकेटी मांयन सून केली.

वयल्यो वोवियो विशलेषण केल्यार हांतूं प्रास, अलंकार आनी छंदस आसा. पूण वोवियांचे रूप विकार जालां.

ಲಿ ನಾಜೂಕ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಬ್ದ್ ಆನಿ ಪ್ರಾಸ್ ಆಸ್ಚೆ ಆಮ್ಕಾಂ ಕಳ್ತಾ. ತರೀ ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ಂಕ್ಣಿಂತ್ ಪ್ರಾಸಭರಿತ್ ಸಬ್ದಾಂಭಂಡಾರ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಬರಿಂ ಪ್ರಾಸಾ ಖಾತಿರ್ ತುಳ್ವೆಚೆ, ಡಾಚೆ, ಇಂಗ್ಲೀಷಾಚೆ ಆನಿ ಹಿಂದೆಚೆ ಸಬ್ದ್ ವಾಪಾರ್ನ್ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚೆಂ ಆಯ್ಜ್ಯಾ ಜಾರ್ ಸೊಬಾಣಾಂನಿ ಆಮ್ಕಾಂ ದಿಸ್ತಾ. ಹ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ಆನಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚೊ ಾರ್ ಆನಿ ಅಪಭ್ರಂಶ್ ಜಾತಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಹ್ಯಾ ಸಕಯ್ಲ್ಯಾ ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಕಳ್ತಾ.

ಕನ್ನಡಾನ್ ರಾಂದ್ವಯೆಕ್ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್ ತರ್ಕಾರಿ, ಸದಾಂ ಪುರ್ಪುರಿ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ ತುಜಿ.
ಇಂಗ್ಲಿಷ್ ಭಾಶೆನ್ ಪಯ್ಸ್ಯಾಂಕ್ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್ ಮನಿ, ಸಕ್ಕಡ್ ಭಾಂಗಾರಾ ಬರಾಬರ್ ವ್ಹರೆತಾಚಿ ಕರಿಯಾಮಣಿ.
ತುಳ್ವ್ಯಾ ಭಾಷೆನ್ ಕುರ್ಲೆಕ್ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್ ದೆಂಜಿ, ಭೋವ್ ಆಸಾ ನಂಜಿ ವ್ಹರೆತಾ ಮಿಣ್ವೆ ತುಜಿ.
ತುಳ್ವ್ಯಾಂ ಭಾಶೆನ್ ಮಿರ್ಸಾಂಗೆಕ್ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್ ಮುಂಚಿ, ಕರಿಯಮಣಿ ಉಂಚಿ ವ್ಹಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತಾಚಿ.
ತುಳ್ವ್ಯಾ ಭಾಷೆನ್ ಮುಸ್ಕಾಕ್ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್ ನುರ್ಗೆ, ವಿಸ್ರೊಂಚೆಂ ನ್ಹಂಯ್ ಭುರ್ಗೆಂ ಆಮ್ಚೆಂ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
ತುಳ್ವ್ಯಾ ಭಾಷೆನ್ ಕುಳ್ಟಾಕ್ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್ ಕುಡು, ಕಳ್ವ್ಯೆನ್ ಮೆಜ್ಲಾ ದುಡು ಹೊಕ್ಲೆ ಬಾಪಾಯ್ನ್ ತುಜ್ಯಾ.
ತುಳ್ವೆ ಭಾಷೆನ್ ದುಡ್ವಾಕ್ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್ ಕಾಸ್, ಇಲ್ಲೆಂ ಆಯ್ಲಾಂ ಮಾಸ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.

19 ವಿಕಾರ್ ವೊವಿಯೊ ಆನಿ ಆರ್ಥ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ

ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂನಿ ಘಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂನಿ ಭೋವ್ ಆಪುರ್ಬಾಯೆಚೆಂ ಕೊಂಕ್ಣಿ ುತ್ರಾಂ ಭಂಡಾರ್, ಪ್ರಾಸ್, ಛಂದಸ್ ಆನಿ ಆರ್ಥ್ ಸಂಪೂರ್ಣ್ ರಿತಿನ್ ಮಿಸ್ಳೊನ್ ಆಸಾ ಂ ಆಮ್ಕಾಂ ದಿಸ್ತಾ. ಪುಣ್ ಹ್ಯೊ ಸಕಯ್ಲ್ಯೊ ಥೊಡ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ವಿಶ್ಲೇಷಣ್ ಕೆಲ್ಯಾರ್, ಳೊನ್ ಯೆತಾಕೀ ಸಾಂಪ್ರದಾಯಿಕ್ ವೊವಿಯಾಂಚೆಂ ರೂಪ್, ಪ್ರಕಾರ್ ಆನಿ ಪ್ರಾಸ್ ಾಂತುಂ ನಾಂತ್. ಹ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂತ್ ಸಾರ್ಕೊ ಆರ್ಥ್‌ಯೀ ಮೆಳಾನಾ. ಜಾಂವ್ಕ್ ಪುರೊ ರ್ಚ್ ತೊಂಡ್ಚಾಶಿಂ ವೊವಿಯೊ ಎಕಾ ತೊಂಡಾ ಥಾವ್ನ್ ಅನ್ಯೇಕಾ ತೊಂಡಾಕ್ ಪಾಶಾರ್ ಾತಾನಾ ಸಬ್ದ್ ವಿಸ್ರೊನ್, ಮೂಳ್ ಸಬ್ದ್ ಬದ್ಲೊನ್ ಅರ್ಥಾರಹಿತ್ ಜಾಲ್ಯಾತ್ ವಾ ೊಪಿಯಾಂಚ್ಯಾ ಆಮೂಲ್ಯ್ ಸಾಹಿತ್ಯಾಚಿ ಜಾಣ್ವಾಯ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂನಿ ತ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ಡ್‌ಲ್ಲೆಬರಿಂ ದಿಸ್ತಾ. ದಾಕ್ಲ್ಯಾಕ್,

ವೀಸ್ ವರ್ಸಾಂ ಭರ್ಲಿಂ ವ್ಹರೆತಾ ತುಜ್ಯಾ ಆಂಗಿಂ, ಆಜ್ ಜಾಲಿ ಖುಶಿ ತುಕಾ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಂವ್ಚಿ.
ಆಪ್ರೊಸ್ ರೋಸ್ ಬಾಂಕಾರ್ ತೀನಾಂ ಬೊರೊ, ಮನಾನ್ ಧಾದೊಶಿ ಹೊಕ್ಲೆ ಆವಯ್ ತುಜಿ,
ಹಾಡ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾಚಿ ತೊಡೊಪ್, ತೊಡ್ಪಿಕ್ ಲಾಯ್ಲ್ಯಾ ಜರ್‌ಕಾಯಿ ಭಾಂಗಾರಾಚಿ.
ಪಯ್ಲ್ಯಾಚಿ ಜಾವ್ ಆಗ್ಲೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ದುಸ್ರ್ಯಾಚಿ ಜಾವ್ ಪಾವ್ಲಿ, ತಿಸ್ರ್ಯಾಚಿ ಜಾವ್ ಚಂದ್ರ್ ಸುರ್ಯೊ.

ವಯ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ ವಿಶ್ಲೇಷಣ್ ಕೆಲ್ಯಾರ್ ಹಾಂತುಂ ಪ್ರಾಸ್, ಅಲಂಕಾರ್ ಆನಿ ಛಂದಸ್, ತಾಳ್ ದಿಸಾನಾ. ದೆಕುನ್ ವೊವಿಯಾಂಚೆಂ ರೂಪ್ ಹಾಂತುಂ ವಿಕಾರ್ಲಾಂ.

ಪಯ್ಲ್ಯಾಚೆಂ ನಾಂವ್ ರೊಜ್ಲಿನ್, ದುಸ್ರ್ಯಾಚೆಂ ನಾಂವ್ ಆಂಜೆಲಿನ್, ತಿಸ್ರ್ಯಾಚೆಂ ನಾಂವ್ ಜಾಕಿನ್.
ಮಾಂಯ್ ಆಸ್ಕತ್ ಸುನ್ ವೆಂಗ್‌ಭರ್, ಪಾಂಪಾಳ್ಯಾನ್ ಯೆತಾ ಮಾಂಯ್ಚೊ ಹಾತ್ ಧರ್.
ಆಯ್ಯಾಂಚೆಂ ಸೊಡ್ಲೆಂ ಲಕ್ಷಾಂಚೆಂ ನ್ಹೆಸ್ಲಿ, ರೆಗಾಂ ಗೆಲಿಶಿ ದಿಸ್ಲಿ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
ಉಬಾರ್ ಘಾರ್ ಸಕಯ್ಲ್ ಪಾಕೆಟ್ರ, ಘರಾಕ್ ಜೊಕೆಟ ಮಾಂಯ್ನ್ ಸುನ್ ಕೆಲಿ.

ವಯ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ ವಿಶ್ಲೇಷಣ್ ಕೆಲ್ಯಾರ್ ಹಾಂತುಂ ಪ್ರಾಸ್, ಅಲಂಕಾರ್ ಆನಿ ಛಂದಸ್ ಆಸಾ. ಪೂಣ್ ವೊವಿಯಾಂಚೆ ರೂಪ್ ವಿಕಾರ್ ಜಾಲಾಂ.

६.२० नितळ वोवियां संसकृतेंत पोजडेपण

आदल्या काळार रोस वा साडो नेसंवचें काऱ्यें स्त्रीयो मांडून हाडताल्यो आ दादले माटवांत व्यवस्था आनी जेवणाची सरबराय कर्च्यांत मग्न आसताले. आजका काऱ्यांनी होल, काऱ्यनिर्वाहक, संगीत, सुंर्गाराय, वोर्जी, केटरिंग आनी सगळी व्यवस कंत्राटाक वयसून दितात आसतां दादल्यांक सांसकृतीक काऱ्यांनी वांटो घेवंक जाय वेळ मेळता.

ह्या वर्वीं वोवियो म्हणच्या काऱ्यांत दादलेय मेतेर जातात आनी संसकृति सोभाय चडयतात. पूण थोडे दादले हाजर आसल्ल्यांचे गमन वोडच्या आनी हासंवच निबान पोजडे सब्द वोवियांनी भर्सुंचें प्रयतन कर्तात. ह्या वर्वीं कोंकणी संसकृतेच ग्रेसतकायेक कुराड मारल्लेबरी जाता.दाकल्याक,

- आमचा घरा पाटीं अबोल्याचें कांड, दोगां घोवांचे रांड हांगा वोवियो गाता.
- आयचे रातीक नीद बरी काड, फाल्या रातीक नवऱ्याक उग्तें सोड.
- पोडीं भितर पोडी आंब्याच्यो पोडी, हनिमूनाक या म्हण होकाल वत्ताय करी.

६.२१ वोवियांच्या सब्द, रूप आनी आर्थांत बदलावण

वोवियो एक लोकवेद संपरदाय. वोवियांचो घडणार कोण आनी केदाळा म्हळ्ळे आमी नेणांव. वोवियो तोंडी साहित्य जाल्लेवर्वीं वेळा काळाच्या प्रभावान आनी सब उच्चार कर्च्या व्यत्यासान वोवियांचें सब्द, रूप आनी आर्थ बदल्ता. दाकल्याक,

- कानीं ताळवे तेल घालन <u>बसयलां मणियेर</u>, बेसांव दीवंक <u>येगे सर्गिंचे विर्जामाये</u>.
- कानीं ताळवे तेल घालन <u>दुवरलें मणिये</u>, बेसांव दी <u>राणिये सर्गिंचे विर्जामाये.</u>
- आपरोस येज्मानिच्या कांकणा, <u>दाक</u> जाल्या पाटणा, हांगा रोस म्हण.
- आपरोस येज्मानिच्या कांकणा, <u>जाग</u> जाल्या पाटणा, हांगा रोस म्हण.
- सकाळीं <u>काडल्लीं</u> फुलां सांजेर बावलीं, आल्मां पावलीं ह्यावी रोसालागीं.
- सकाळीं <u>माळल्लीं</u> फुलां सांजेर बावलीं, आल्मां पावलीं ह्यावी रोसालागीं.
- रेस्पेराक वेता व्हरेता दसतुरेच्या दरबारान, पाटीं येताना ये व्हकलेच्या <u>सांगातान</u>.
- रेस्पेराक वेता व्हरेता दसतुरेच्या दरबारान, पाटीं येताना ये <u>कसतुरेच्या पर्मळान.</u>

६.२२ वोवियांनी सोरो

मनश्या चरित्रेंत सोरयांक ताचेंच म्हळ्ळें स्थान आसा. थोड्या संदर्भांनी मानाच तर हेर थोड्या संदर्भांनी आवमानाचो. आमच्या मालघड्यांचा जीवनांत सोरो प्रमूक पा खेळतालो. सगळो दीस वावर कर्न पुरो जाल्ल्यांक सांजेर एक कुट्टें सोरो जिवाक उल्लास दितालो. काजार सोबाण, फेसता परबांवेळा सोरो संबरमाचो तशें मनोरंजनाच संकेत जातालो.

20 ನಿತಳ್ ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತೆಂತ್ ಪೊಜ್ಡಿಪಣ್

ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ರೋಸ್ ವಾ ಸಾಡೊ ನೆಸಂವ್ಚೆಂ ಕಾರ್ಯೆಂ ಸ್ತ್ರೀಯೊ ಮಾಂಡುನ್ ಎಡ್ತಾಲ್ಯೊ ಆನಿ ದಾದ್ಲೆ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ವ್ಯವಸ್ಥಾ ಆನಿ ಜೆವ್ಣಾಚಿ ಸರ್ಬರಾಯ್ ಕರ್ಚ್ಯಾಂತ್ ಎಗ್ಸ್ ಆಸ್ತಾಲೆ. ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ಹೊಲ್, ಕಾರ್ಯನಿರ್ವಾಹಕ್, ಸಂಗೀತ್, ಂಗಾರ್ರಾಯ್, ವೊಜೆಂ, ಕೇಟರಿಂಗ್ ಆನಿ ಸಗ್ಳಿ ವ್ಯವಸ್ಥಾ ಕಂತ್ರಾಟಾಕ್ ವಯ್ಲ್ಯಾನ್ ದಿತಾತ್ ಸ್ತಾಂ ದಾದ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ಸಾಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ವಾಂಟೊ ಘೆಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ತೊ ವೇಳ್ ಳ್ತಾ.

ಹ್ಯಾ ವರ್ಸಿಂ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಾಂತ್ ದಾದ್ಲೆಯ್ ಮೆತೆರ್ ಜಾತಾತ್ ಆನಿ ಂಸ್ಕೃತಿಚಿ ಸೊಭಾಯ್ ಚಡಯ್ತಾತ್. ಪುಣ್ ಥೊಡೆ ದಾದ್ಲೆ ಹಾಜರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂಚೆ ಗಮನ್ ಓಡ್ಚ್ಯಾ ಆನಿ ಹಾಸಂವ್ಚ್ಯಾ ನಿಬಾನ್ ಪೊಜ್ಡೆ ಸಬ್ದ್ ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಭರ್ಸುಂಚೆಂ ಪ್ರಯತನ್ ರ್ತಾತ್. ಹ್ಯಾ ವರ್ಸಿಂ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚ್ಯಾ ಗ್ರೇಸ್ತ್‌ಕಾಯೆಕ್ ಕುರಾಡ್ ಮಾರ್‌ಲ್ಲೆಬರಿ ಾತಾ. ದಾಕ್ಲ್ಯಾಕ್.

- ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಪಾಟಿಂ ಅಬೊಲ್ಯಾಚೆಂ ಕಾಂಡ್, ದೊಗಾಂ ಘೊವಾಂಚೆ ರಾಂಡ್ ಹಾಂಗಾ ವೊವಿಯೊ ಗಾತಾ.
- ಆಯ್ಚೆ ರಾತಿಕ್ ನೀದ್ ಬರಿ ಕಾಡ್, ಫಾಲ್ಯಾ ರಾತಿಕ್ ನವ್ರ್ಯಾಕ್ ಉಗ್ತೆಂ ಸೊಡ್.
- ಪೊಡಿಂ ಭಿತರ್ ಪೊಡಿ ಆಂಬ್ಯಾಚ್ಯೊ ಪೊಡಿ, ಹನಿಮೂನಾಕ್ ಯಾ ಮ್ಹಣ್ ಹೊಕಾಲ್ ವತ್ತಾಯ್ ಕರಿ.

6.21 ವೊವಿಯಾಂಚ್ಯಾ ಸಬ್ದ್, ರೂಪ್ ಆನಿ ಅರ್ಥಾಂತ್ ಬದ್ಲಾವಣ್

ವೊವಿಯೊ ಏಕ್ ಲೊಕ್‌ವೆದ್ ಸಂಪ್ರದಾಯ್.ವೊಪಿಯಾಂಚೊ ಘಡ್ಣಾರ್ ಕೋಣ್ ಆನಿ ಕೆದಾಳಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಆಮಿ ನೆಣಾಂವ್. ವೊವಿಯೊ ತೊಂಡಿ ಸಾಹಿತ್ ಜಾಲ್ಲೆವರ್ಸಿಂ ವೆಳಾ ಕಾಳಾಚ್ಯಾ ಪ್ರಭಾವಾನ್ ಆನಿ ಸಬ್ದ್ ಉಚ್ಚಾರ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ವ್ಯತ್ಯಾಸಾನ್ ವೊಪಿಯಾಂಚೆಂ ಸಬ್ದ್, ರೂಪ್ ಆನಿ ಅರ್ಥ್ ಬದಲ್ತಾ. ದಾಕ್ಲ್ಯಾಕ್.

- ಕಾನಿಂ ತಾಳ್ವೆ ತೆಲ್ ಘಾಲ್ನ್ ಬಸಯ್ಲಾಂ ಮಣಿಯೆರ್, ಬೆಸಾಂವ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಯೇಗೆ ಸರ್ಗಿಂಚೆ ವಿರ್ಜಾಮಾಯೆ.
- ಕಾನಿಂ ತಾಳ್ವೆ ತೆಲ್ ಘಾಲ್ನ್ ದವರ್ಲೆಂ ಮಣಿಯೆ, ಬೆಸಾಂವ್ ದಿ ರಾಣಿಯೆ ಸರ್ಗಿಂಚೆ ವಿರ್ಜಾಮಾಯೆ.
- ಆಪ್ರೊಸ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಕಾಂಕ್ಣಾ, ದಾಕ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಪಾಟ್ಣಾ, ಹಾಂಗಾ ರೋಸ್ ಮ್ಹಣ್.
- ಆಪ್ರೊಸ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಕಾಂಕ್ಣಾ, ಜಾಗ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಪಾಟ್ಣಾ, ಹಾಂಗಾ ರೋಸ್ ಮ್ಹಣ್.
- ಸಕಾಳಿಂ ಕಾಡ್‌ಲ್ಲಿಂ ಫುಲಾಂ ಸಾಂಜೆರ್ ಬಾವಲಿಂ, ಆಲ್ಕಾಂ ಪಾವಲಿಂ ಹ್ಯಾವಿ ರೊಸಾಲಾಗಿಂ.
- ಸಕಾಳಿಂ ಮಾಳ್‌ಲ್ಲಿಂ ಫುಲಾಂ ಸಾಂಜೆರ್ ಬಾವಲಿಂ, ಆಲ್ಕಾಂ ಪಾವಲಿಂ ಹ್ಯಾವಿ ರೊಸಾಲಾಗಿಂ.
- ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ವೆತಾ ವ್ಹರತಾ ದಸ್ತುರೆಚ್ಯಾ ದರ್ಬಾರಾನ್, ಪಾಟಿಂ ಯೆತಾನಾ ಯೇ ವ್ಹಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಸಾಂಗಾತಾನ್.
- ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ವೆತಾ ವ್ಹರತಾ ದಸ್ತುರೆಚ್ಯಾ ದರ್ಬಾರಾನ್, ಪಾಟಿಂ ಯೆತಾನಾ ಯೇ ಕಸ್ತುರೆಚ್ಯಾ ಪರ್ಮಳಾನ್.

6.22 ವೊವಿಯಾಂನಿ ಸೊರೊ

ಮನ್ಶ್ಯಾ ಚರಿತ್ರೆಂತ್ ಸೊರ್‍ಯಾಕ್ ತಾಚೆಂಚ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಸ್ಥಾನ್ ಆಸಾ. ಥೊಡ್ಯಾ ಸಂದರ್ಭಾಂನಿ ಮಾನಾಚೊ ತರ್ ಹೆರ್ ಥೊಡ್ಯಾ ಸಂದರ್ಭಾಂನಿ ಅವ್ಮಾನಾಚೊ. ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಚಾ ಜೀವನಾಂತ್ ಸೊರೊ ಪ್ರಮುಖ್ ಪಾತ್ರ್ ಖೆಳ್ತಾಲೊ. ಸಗ್ಳೊ ದೀಸ್ ವಾವ್ರ್ ಕರ್ನ್ ಪುರೊ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ಸಾಂಜೆರ್ ಏಕ್ ಕುಟ್ಲೆಂ ಸೊರೊ ಜಿವಾಕ್ ಉಲ್ಲಾಸ್ ದಿತಾಲೊ. ಕಾಜಾರ್ ಸೊಬಾಣ್, ಫೆಸ್ತಾ ಪರ್ಬಾಂವೆಳಾ ಸೊರೊ ಸಂಭ್ರಮಾಚೊ ತಶೆಂ ಮನೋರಂಜನಾಚೊ ಸಂಕೇತ್ ಜಾತಾಲೊ.

सोरो उकडुंक निरबंध आसल्यारी गुटान काजार-सोबाणां, फेसत-परबे काऱ्याक पयलेंच गर्जे पुर्तो सोरो तयार कर्न धर्णी पदां लिपवन दवर्ताले. रोसा दिसा वोजीं वाववन माटवाक हाडल्ल्या दायज्यांक मानाचो संकेत जावन गुप्तीं एक बोतल सोरो दिंवच्ची रिवाज आसल्ली. तशेंच काजाराक जेवाण, रोसा उपरांत रातीं तयार करुंक आसल्ले. रोश्यांत वावर कर्तेल्या दादल्यांक गुप्तीं सोरो दिंवचो आसल्लो. काजारा दिसा, अनकूल आसल्लीं कुटमां पंग्तेर जेवणावेळा व्हडांक सोरो वांटतालीं. बहुशा ह्या कारणावर्वीं वोवियांनी सोरया?कयी जागो दिला तें ह्या सकयल्या वोवियांनी कळता.

- आमचा घरा मुकार सांपेरिचें रान, येज्मानी सोरो दिता व्हडल्या तांबलेरान.
- रोसाच्या माटवा मावळ्यान धाडला सोरो, जेवणाक वेळ जालो वेग्गीं वांटल्यार बरो.
- इतले वेर्स गावन ताळो आमचो पडलो, विसकी, ब्रांडी, सोरो, आमकां दिंवच्याक पडलो.
- वोराण हाडून येताना उडल्यांव आमी दोरो, तयार करा सोरो आतां व्होर सुद्रावंक.
- आमच्या ह्या रोसाक सोरयाय बाटल्यो बारा, तयार दवरा दिंवच्याक वोवळ्यांक.
- आमचो येज्मानी, न्हेसला चक्राचें पुडवें, सुरेसोऱ्याचें कर्वें होकले बापूय तुजो.
- आयिल्ल्या सयऱ्यांक पाटी करिनाका, काल्दी दिल्या शिवाय बापायक धाडिनाका.
- आमच्या घरा मुखार आंदोणेचो सोप, सोरया?चो जोप आमच्या व्हरेताक.
- पाटीर सोडले केस, केसांक माळ्ळीं फुलां, विसकी दितां म्हणोन येज्मान्यान उतर दिलां.
- रोसाक आयिल्ले वोवळे बांकार मांद्रेर बसा, ताळो भिजंवच्याक आपूट काजुचो आसा.
- इतल्यो वोव्यो म्हणून ताळो आमचो पडलो, काजुचो दिंवचो येज्मानी खंयसर लिपोन बसलो?
- भितरल्या कुडांत दवरल्या बाल्दी, पयली दी काल्दी आमकां दायज्यांक.

६.२३ वोवियांनी संबंध रूपीत सब्दावळ

वोवियांनी धाराळ मापान संबंध सूचक सब्द उल्लेक केल्ले आमकां दिसोन येतात. देकीक,

- मांयक पळेवन भिये होकले मांवाक पळेवन लजे, शाभास म्हणोन जिये फाल्यां कोड्याळांत.
- आवाळ्याच्या रुका मुळा रोंपी कुवाळ्याची, देराच्या काजाराक भावोज दुवाळ्यांची.
- येज्मानिच्या हुंबरार व्हड आसा पागर, भोव आसा आधार व्हरेता मिवण्यांचो.
- ह्यावी सयरिकेक नातल्लें आमकां गुमान, मावळो आसा जमान ह्या सयरिकेक.
- ह्यावी माटवांत बापले तुजे म्हाल, तुज्या बापायचा खाल बापल्यो रोस लायता.
- दोगी तेगी जाजावो सांगाता बसोन माऱ्यां उवो, आयच्यान जाल्यांव धुवो एक्ये आवयिच्यो.
- व्हडिलांनी सांगलां आमकां, आमी सांग्तांव तुका, न्याय झगडें नाका आमकां जाजावांक.
- भायर भितर वेताना पांयांक येती वोडी, बरी कर कडी होकले भाव्यांक तुज्या.
- हातांतलो तुवालो वाटेर गळयनाका, भचरां आयल्यार वांकडें पळेयनाका.
- सकाळीं उटोन हातांत धर दोर, तूं खंय वेताय जाल्यार नंडांक आपवन व्हर.
- शेर घाल्चे कडेन अर्धो शेर घाल, मुल्केचो नंडायो आयल्यार बुडकुलो वोमतो घाल.

ಸೊರೊ ಉಕ್ಡುಂಕ್ ನಿರ್ಬಂಧ್ ಆಸ್ಲ್ಯಾರೀ ಗುಟಾನ್ ಕಾಜಾರ್-ಸೊಬಾಣಾಂ, ್-ಪರ್ಜೆ ಕಾರ್ಯಾಂಕ್ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ ಗರ್ಜೆ ಪುರ್ತೊ ಸೊರೊ ತಯಾರ್ ಕರ್ನ್ ಧರ್ಣಿ ಸಾಂ ಲಿಪವ್ನ್ ದವರ್ತಾಲೆ. ರೊಸಾ ದಿಸಾ ವೊಜೆಂ ವಾವವ್ನ್ ಮಾಟ್ವಾಕ್ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಯ್ಯಾಂಕ್ ಮಾನಾಚೊ ಸಂಕೇತ್ ಜಾವ್ನ್ ಗುಪಿಂ ಏಕ್ ಬೋತ್ಲ್ ಸೊರೊ ದಿಂವ್ಚಿ ವಾಜ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ತಶೆಂಚ್ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಜೆವಾಣ್, ರೊಸಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ರಾತಿಂ ತಯಾರ್ ಬಂಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ರೊಶ್ಯಾಂತ್ ವಾವ್ರ್ ಕರ್ತೆಲ್ಯಾ ದಾದ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ಗುಪಿಂ ಸೊರೊ ದಿಂವ್ಚೊ ಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಕಾಜಾರಾ ದಿಸಾ, ಅನ್ಕುಲ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿಂ ಕುಟ್ಮಾಂ ಪಂಗ್ತಿರ್ ಜೆವ್ಣಾವೆಳಾ ವ್ಹಡಾಂಕ್ ಸರೊ ವಾಂಟ್ತಾಲಿಂ. ಬಹುಶಾ ಹ್ಯಾ ಕಾರಣಾವರ್ವಿಂ ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಸೊರ್ಯಾಕ್‌ಯೀ ಗೊ ದಿಲಾ ತಶೆಂ ಹ್ಯಾ ಸಕಯ್ಲ್ಯಾ ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಕಳ್ತಾ.

ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಕಾರ್ ಸಾಂಪೆರಿಚೆಂ ರಾನ್, ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಸೊರೊ ದಿತಾ ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾ ತಾಂಬ್ಲೆರಾನ್.
ರೊಸಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾ ಮಾವ್ಯಾನ್ ಧಾಡ್ಲಾ ಸೊರೊ, ಜೆವ್ಣಾಕ್ ವೇಳ್ ಜಾಲೊ ವೆಗ್ಗಿಂ ವಾಂಟ್ಲ್ಯಾರ್ ಬರೊ.
ಇತ್ಲೆ ವೇರ್ಸ್ ಗಾವ್ನ್ ತಾಳೊ ಆಮ್ಚೊ ಪಡ್ಲೊ, ವಿಸ್ಕಿ, ಬ್ರಾಂಡಿ, ಸೊರೊ, ಆಮ್ಕಾಂ ದಿಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ಪಡ್ಲೊ.
ವೊರಾಣ್ ಹಾಡುನ್ ಯೆತಾನಾ ಉಡ್ಲ್ಯಾಂವ್ ಆಮಿ ದೊರೊ, ತಯಾರ್ ಕರಾ ಸೊರೊ ಆತಾಂ ವ್ಹೊರ್ ಸುದ್ರಾಂವ್ಕ್.
ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ರೊಸಾಕ್ ಸೊರ್ಯಾ ಬಾಟ್ಲ್ಯಾ ಬಾರಾ, ತಯಾರ್ ದವರಾ ದಿಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ವೊವ್ಯಾಂಕ್.
ಆಮ್ಚೊ ಯೆಜ್ಮಾನಿ, ನ್ಹೆಸ್ಲಾ ಚಕ್ರಾಚೆಂ ಪುಡ್ವೆಂ, ಸುರೆಸೊರ್ಯಾಚೆಂ ಕರ್ವೆಂ ಹೊಕ್ಲೆ ಬಾಪುಯ್ ತುಜೊ.
ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್ ಪಾಟಿ ಕರಿನಾಕಾ, ಕಾಲ್ದಿ ದಿಲ್ಯಾ ಶಿವಾಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ಧಾಡಿನಾಕಾ.
ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಖಾರ್ ಆಂದೊಣೆಚೊ ಸೊಪ್, ಸೊರ್ಯಾಚೊ ಜೊಪ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾಕ್.
ಪಾಟಿರ್ ಸೊಡ್ಲೆ ಕೆಸ್, ಕೆಸಾಂಕ್ ಮಾಳ್ಳಿಂ ಫುಲಾಂ, ವಿಸ್ಕಿ ದಿತಾಂ ಮ್ಹಣೊನ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾನ್ ಉತರ್ ದಿಲಾಂ.
ರೊಸಾಕ್ ಆಯಿಲ್ಲೆ ವೊವ್ವೆ ಬಾಂಕಾರ್ ಮಾಂದ್ರಿರ್ ಬಸಾ, ತಾಳೊ ಭಿಜಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ಆಪುಟ್ ಕಾಜುಚೊ ಆಸಾ.
ಇತ್ಲ್ಯಾ ವೊವ್ಯಾ ಮ್ಹಣುನ್ ತಾಳೊ ಆಮ್ಚೊ ಪಡ್ಲೊ, ಕಾಜುಚೊ ದಿಂವ್ಚೊ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಖಂಯ್ಸರ್ ಲಿಪೊನ್ ಬಸ್ಲೊ?
ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಂತ್ ದವರ್ಲ್ಯಾ ಬಾಲ್ದಿ, ಪಯ್ಲಿ ದೀ ಕಾಲ್ದಿ ಆಮ್ಕಾಂ ದಾಯ್ಜ್ಯಾಂಕ್.

6.23 ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಸಂಬಂಧ್ ರೂಪಿತ್ ಸಬ್ದಾವಳ್

ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಧಾರಾಳ್ ಮಾಪಾನ್ ಸಂಬಂಧ್ ಸೂಚಕ್ ಸಬ್ದ್ ಉಲ್ಲೇಕ್ ಕೆಲ್ಲೆ ಆಮ್ಕಾಂ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾತ್. ದೆಕಿಕ್,

- ಮಾಂಯ್ಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಭಿಯೆ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಲಜೆ, ಶಾಭಾಸ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಜಿಯೆ ಫಾಲ್ಯಾಂ ಕೊಡ್ಯಾಳಾಂತ್.
- ಆವಾಳ್ಯಾಚ್ಯಾ ರುಕಾ ಮುಳಾ ರೊಂಪಿ ಕುವಾಳ್ಯಾಚಿ, ದೆರಾಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಭಾವೊಜ್ ದುವಾಳ್ಯಾಂಚಿ.
- ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಹುಂಬ್ರಾರ್ ವ್ಹಡ್ ಆಸಾ ಪಾಗರ್, ಭೊವ್ ಆಸಾ ಆಧಾರ್ ವ್ಹರೆತಾ ಮಿವ್ಲ್ಯಾಂಚೊ.
- ಹ್ಯಾವೀ ಸಯ್ರಿಕೆಕ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲೆಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಗುಮಾನ್, ಮಾವ್ವೊ ಆಸಾ ಜಮಾನ್ ಹ್ಯಾ ಸಯ್ರಿಕೆಕ್.
- ಹ್ಯಾವಿ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಬಾಪ್ಲೆ ತುಜೆ ಮ್ಹಾಲ್, ತುಜ್ಯಾ ಬಾಪಾಯ್ಚಾ ಖಾಲ್ ಬಾಪ್ಸ್ಲ್ಯಾ ರೊಸ್ ಲಾಯ್ತಾ.
- ದೊಗಿ ತೆಗಿ ಜಾಜಾವ್ರೊ ಸಾಂಗಾತಾ ಬಸೊನ್ ಮಾರ್ಯಾಂ ಉವ್ರೋ, ಆಯ್ಯಾಟ್ಯಾನ್ ಜಾಲ್ಯಾಂವ್ ಧುವ್ರೋ ಎಕ್ಕೆ ಆವಯಿಚ್ಯೊ.
- ವ್ಹಡಿಲಾಂನಿ ಸಾಂಗ್ಲಾಂ ಆಮ್ಕಾಂ, ಆಮಿ ಸಾಂಗ್ತಾಂವ್ ತುಕಾ, ನ್ಯಾಯ್ ಝುಗ್ಡೆಂ ನಾಕಾ ಆಮ್ಕಾಂ ಜಾಜಾವಾಂಕ್.
- ಭಾಯ್ರ್ ಭಿತರ್ ವೆತಾನಾ ಪಾಂಯಾಂಕ್ ಯೆತಿ ವೊಡಿ, ಬರಿ ಕರ್ ಕಡಿ ಹೊಕ್ಲೆ ಭಾವ್ಯಾಂಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
- ಹಾತಾಂತ್ಲೊ ತುವಾಲೊ ವಾಟೆರ್ ಗಳಯ್ನಾಕಾ, ಫಚ್ಯಾಂ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್ ವಾಂಕ್ಡೆಂ ಪಳೆಯ್ನಾಕಾ.
- ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ಹಾತಾಂತ್ ಧರ್ ದೋರ್, ತುಂ ಖಂಯ್ ವೆತಾಯ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ನಂಡಾಂಕ್ ಆಪವ್ನ್ ವ್ಹರ್.
- ಶಿರ್ ಘಾಲ್ಚೆ ಕಡೆನ್ ಅರ್ಧೊ ಶಿರ್ ಘಾಲ್, ಮುಲ್ಕೆಚೊ ನಂಡಾಯೊ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಬುಡ್ಕುಲೊ ವೊಮ್ತೊ ಘಾಲ್.

- आकासाचेर उबता घोण, फाल्या येता सून घर उज्वाडावंक.
- दामासकाचे सत्री भांगाराच्यो गळ्यो, सत्रेथळा राणियो व्हरेता भयणी तुज्यो.
- मिलार मारली घांट, रुजाय जाली टांव, चेर्को जाल्यार जांव पिल्याद जोडतां हांव.
- दऱ्यांत नाचता तें उचांबळ ल्हार, फाल्यां येता तार होकले तुज्या भावाचें.
- येज्मान्याच्या घरा मुकार काजुची फाड, बोरें मागोन धाड होकले भांवडांक तुज्या.
- आदाळ्ळें बोट उसाळ्ळी कात, आजियेन पेंसुल्ली नात आमची व्हकाल बाय.

बहुश्या कोंकणी संसकृतेच्या बांदावळिंत आसचे तितले संबंध रूपीत सब्द हेर खंचायी भाशेंत आसचेनांत तशें म्हाका दिसता. देकून हांगासर म्हाका लाभल्ले संबंध सूचक सब्द आनी तांचो संबंध हावें हांगा उल्लेक केला.

संबंध सूचक नांव	**संबंध**
शेणजो	आज्याचो / आजियेचो आजो
शेणजी	आज्याची / आजियेची आजी
पोणजो	आज्याचो / आजियेचो बापय
पोणजी	आज्याची / आजियेची आवय
आजो	बापयचो / आवयचो बापय
आजी	बापयची / आवयची आवय
बापय	जल्मदातार (दादलो)
आवय	जल्मदातार (स्त्री)
बापल्यो	बापयचो भाव / आवयच्या भयणिचो घोव
मावशी	बापल्याची बायल / आवयची भयण
मावळो (माम)	आवयचो भाव
मावोळन (मामी)	मावळ्याची बायल
आकय	बापायची भयण
पूत	आवय बापयन जल्म दिललो
धू	आवय बापयन जल्म दिलेली
जांवय	धुवेचो घोव
सून	पुताची बायल
येय	जांव्यांचो / सुनेचो बापय
येण	जांव्यांची / सुनेची आवय
मांव	पुताक ताच्या बायलेचो बापय धुवेक ताच्या नोवऱ्याचो बापय सुनेक ताच्या घोवाचो बापय जांव्याक ताच्या बायलेचो बापय

- ಆಕಾಸಾಚೆರ್ ಉಬ್ತಾ ಘೊಣ್, ಘಾಲ್ಯಾ ಯೆತಾ ಸುನ್ ಘರ್ ಉಜ್ವಾಡಾಂವ್ಕ್.
- ದಾಮಾಸ್ಕಾಚೇ ಸತ್ರಿ ಭಾಂಗಾರಾಚ್ಯೊ ಗಳ್ಯೊ, ಸತ್ರೆಥಳಾ ರಾಣಿಯೊ ವ್ಹರೆತಾ ಭಯ್ಣಿ ತುಜ್ಯೊ.
- ಮಿಲಾರ್ ಮಾರ್ಲಿ ಘಾಂಟ್, ರುಜಾಯ್ ಜಾಲಿ ಟಾಂವ್, ಚೆರ್ಕೊ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಜಾಂವ್ ಪಿಲ್ಯಾದ್ ಜೊಡ್ತಾಂ ಹಾಂವ್.
- ದರ್ಯಾಂತ್ ನಾಚ್ತಾ ತೆಂ ಉಚಾಂಬಳ್ ಲ್ಹಾರ್, ಘಾಲ್ಯಾಂ ಯೆತಾ ತಾರ್ ಹೊಕ್ಲೆ ತುಜ್ಯಾ ಭ್ರಾವಾಚೆಂ.
- ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಕಾರ್ ಕಾಜುಚೆ ಘಾಡ್, ಬೊರೆಂ ಮಾಗೊನ್ ಧಾಡ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಭ್ರಾಂವ್ಡಾಂಕ್ ತುಜ್ಯಾ.
- ಆದಾಳ್ಯೆಂ ಬೊಟ್ ಉಸಾಳ್ಳಿ ಕಾತ್, ಆಜಿಯೆನ್ ಪೊಸುಲ್ಲಿ ನಾತ್ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.

ಬಹುಶ್ಯಾ ಕೊಂಕಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚ್ಯಾ ಬಾಂದಾವಳಿಂತ್ ಆಸ್ಚೆ ತಿತ್ಲೆ ಸಂಬಂಧ್ ರೂಪಿತ್ ಸಬ್ದ್ ಹೆರ್ ಖಂಚಾಯೀ ಭಾಶೆಂತ್ ಆಸ್ಚೆನಾಂತ್ ತಶೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಸ್ತಾ. ದೆಕುನ್ ಹಾಂಗಾಸರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಲಾಭ್‌ಲ್ಲೆ ಸಂಬಂಧ್ ಸೂಚಕ್ ಸಬ್ದ್ ಆನಿ ತಾಂಚೊ ಸಂಬಂಧ್ ಹಾಂವೆಂ ಹಾಂಗಾ ಉಲ್ಲೇಕ್ ಕೆಲಾ.

ಸಂಬಂಧ್ ಸೂಚಕ್ ನಾಂವ್	ಸಂಬಂಧ್
ಶೆಣ್ಲೊ	ಆಜ್ಯಾಚೊ / ಆಜಿಯೆಚೊ ಆಜೊ
ಶೆಣ್ಲಿ	ಆಜ್ಯಾಚಿ / ಆಜಿಯೆಚಿ ಆಜಿ
ಪೊಣ್ಲೊ	ಆಜ್ಯಾಚೊ / ಆಜಿಯೆಚೊ ಬಾಪಯ್
ಪೊಣ್ಲಿ	ಆಜ್ಯಾಚಿ / ಆಜಿಯೆಚಿ ಆವಯ್
ಆಜೊ	ಬಾಪಯ್ಲೊ / ಆವಯ್ಲೊ ಬಾಪಯ್
ಆಜಿ	ಬಾಪಯ್ಲಿ / ಆವಯ್ಲಿ ಆವಯ್
ಬಾಪಯ್	ಜಲ್ಮ್‌ದಾತಾರ್ (ದಾದ್ಲೊ)
ಆವಯ್	ಜಲ್ಮ್‌ದಾತಾರ್ (ಸ್ತ್ರೀ)
ಬಾಪ್ಲ್ರೊ	ಬಾಪಯ್ಲೊ ಭಾವ್ / ಆವಯ್ಲ್ರ್ಯಾ ಭಯ್ಣಿಚೊ ಘೊವ್
ಮಾವ್ಶಿ	ಬಾಪ್ಲ್ರ್ಯಾಚಿ ಬಾಯ್ಲ್ / ಆವಯ್ಲಿ ಭಯ್ಣ್
ಮಾವ್ಲೊ (ಮಾಮ್)	ಆವಯ್ಲೊ ಭಾವ್
ಮಾವೊಳ್ಸ್ (ಮಾಮಿ)	ಮಾವ್ಲ್ರ್ಯಾಚಿ ಬಾಯ್ಲ್
ಆಕಯ್	ಬಾಪಾಯ್ಲಿ ಭಯ್ಣ್
ಪೂತ್	ಆವಯ್ ಬಾಪಯ್ಕ್ ಜಲ್ಮ್ ದಿಲಲೊ
ಧು	ಆವಯ್ ಬಾಪಯ್ಕ್ ಜಲ್ಮ್ ದಿಲೆಲಿ
ಜಾಂವಯ್	ಧುವೆಚೊ ಘೊವ್
ಸುನ್	ಪುತಾಚಿ ಬಾಯ್ಲ್
ಯೇಯ್	ಜಾಂವ್ಯಾಂಚೊ / ಸುನೆಚೊ ಬಾಪಯ್
ಯೇಣ್	ಜಾಂವ್ಯಾಂಚಿ / ಸುನೆಚಿ ಆವಯ್
ಮಾಂವ್	ಪುತಾಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲೆಚೊ ಬಾಪಯ್ ಧುವೆಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ನೊವ್ರ್ಯಾಚೊ ಬಾಪಯ್ ಸುನೆಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ಘೊವಾಚೊ ಬಾಪಯ್ ಜಾಂವ್ಯಾಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲೆಚೊ ಬಾಪಯ್

मांय	पुताक ताच्या बायलेची आवय धुवेक ताच्या नोवऱ्याची आवय सुनेक ताच्या घोवाची आवय जांव्याक ताच्या बायलेची आवय
पागूर मांव	मांवाचो भाव
पागूर मांय	मांवाच्या भावाची बायल
मिवणो	बायलेचो भाव
मिवणी	बायलेची भयण
बावो	घोवाचो व्हडलो भाव
भावोज	भावाची बायल
वोनी	व्हडल्या भावाची बायल
देर	घोवाचो धाकटो भाव
जाव	घोवाच्या भावाची बायल
नणंद	घोवाची भयण
नंडायो	घोवाच्या भयणिचो घोव
भावोजी	भयणिचो घोव
भाव	भयणीक आवय बापयचो पूत
भयण	भावाक आवय बापयची धू
दाट्ट	व्हडलो भाव
बाय	व्हडली भयण
भाचो	भयणिचो पूत
भाची	भयणिची धू
पुल्यो	भावाचो पूत
धुवडी	भावाची धू
नात्रां	पुताचीं / धुवेचीं भुर्गीं
पोणतुरां	पुताच्या पुताचीं / धुवेच्या धुवेचीं भुर्गीं
शेणतुरां	पुताच्या, पुताच्या, पुताचीं / धुवेच्या, धुवेच्या, धुवेचीं भुर्गीं
कुंपाद्र	बापयक / आवयक आपल्या भुर्ग्यांचें पिल्याद जोडल्लो दादलो
कुमाद्र	कुंपाद्रिची बायल/ पिल्याद जोडलेली स्त्री
पोदोर्न	पिल्याद जोडल्लो दादलो
मोदोर्न	पिल्याद जोडल्ल्याची बायल/ स्त्री
पिल्याद	पिल्याद जोडल्ल्याक पिल्याद जोडल्लो चलो / चली
साडू	भभयण्यांचे घोव
भांवडां	घोवाचीं/बायलेचीं भाव भयणीं
भचरां	घोवाक अपल्या बायलेचीं/बायलेक अपल्या घोवाचीं भाव भयणीं.

ಮಾಂಯ್	ಪುತಾಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲೆಚಿ ಆವಯ್ ಧುವೆಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ನೊವ್ರ್ಯಾಚಿ ಆವಯ್ ಸುನೆಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ಘೊವಾಚಿ ಆವಯ್ ಜಾಂವ್ಯಾಕ್ ತಾಚ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲೆಚಿ ಆವಯ್
ಪಾಗುರ್ ಮಾಂವ್	ಮಾಂವಾಚೊ ಭಾವ್
ಪಾಗುರ್ ಮಾಂಯ್	ಮಾಂವಾಚ್ಯಾ ಭಾವಾಚಿ ಬಾಯ್ಲ್
ಮಿವ್ಣೊ	ಬಾಯ್ಲೆಚೊ ಭಾವ್
ಮಿಷ್ಣಿ	ಬಾಯ್ಲೆಚಿ ಭಯ್ಣ್
ಬಾವೊ	ಘೊವಾಚೊ ವ್ಹಡ್ಲೊ ಭಾವ್
ಭಾವೊಜ್	ಭಾವಾಚಿ ಬಾಯ್ಲ್
ವೊನಿ	ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾ ಭಾವಾಚಿ ಬಾಯ್ಲ್
ದೇರ್	ಘೊವಾಚೊ ಧಾಕ್ಟೊ ಭಾವ್
ಜಾವ್	ಘೊವಾಚ್ಯಾ ಭಾವಾಚಿ ಬಾಯ್ಲ್
ನಣಂದ್	ಘೊವಾಚಿ ಭಯ್ಣ್
ನಂಡಾಯೊ	ಘೊವಾಚ್ಯಾ ಭಯ್ಣಿಚೊ ಘೊವ್
ಭಾವೊಜಿ	ಭಯ್ಣಿಚೊ ಘೊವ್
ಭಾವ್	ಭಯ್ಣಿಕ್ ಆವಯ್ ಬಾಪಯ್ಚೊ ಪೂತ್
ಭಯ್ಣ್	ಭಾವಾಕ್ ಆವಯ್ ಬಾಪಯ್ಚಿ ಧು
ದಾಟ್ಸು	ವ್ಹಡ್ಲೊ ಭಾವ್
ಬಾಯ್	ವ್ಹಡ್ಲಿ ಭಯ್ಣ್
ಭಾಚೊ	ಭಯ್ಣಿಚೊ ಪೂತ್
ಭಾಚಿ	ಭಯ್ಣಿಚಿ ಧು
ಪುತ್ರ್ಯೊ	ಭಾವಾಚೊ ಪೂತ್
ಧುವ್ಣಿ	ಭಾವಾಚಿ ಧು
ನಾತ್ರಾಂ	ಪುತಾಚಿಂ / ಧುವೆಚಿಂ ಭುರ್ಗಿಂ
ಪೊಣ್ತುರಾಂ	ಪುತಾಚ್ಯಾ ಪುತಾಚಿಂ / ಧುವೆಚ್ಯಾ ಧುವೆಚಿಂ ಭುರ್ಗಿಂ
ತೆಣ್ತುರಾಂ	ಪುತಾಚ್ಯಾ, ಪುತಾಚ್ಯಾ, ಪುತಾಚಿಂ / ಧುವೆಚ್ಯಾ, ಧುವೆಚ್ಯಾ, ಧುವೆಚಿಂ ಭುರ್ಗಿಂ
ಕುಂಪಾದ್ರ್	ಬಾಪಯ್ಕ್ / ಆವಯ್ಕ್ ಅಪ್ಲ್ಯಾ ಭುರ್ಗ್ಯಾಚಿಂ ಪಿಲ್ಯಾದ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲೊ ದಾದ್ಲೊ
ಕುಮಾದ್ರ್	ಕುಂಪಾದ್ರಿಚಿ ಬಾಯ್ಲ್/ ಪಿಲ್ಯಾದ್ ಜೊಡ್ಲೆಲಿ ಸ್ತ್ರೀ
ಪೊದೊರ್ನ್	ಪಿಲ್ಯಾದ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲೊ ದಾದ್ಲೊ
ಮೊದೊರ್ನ್	ಪಿಲ್ಯಾದ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಚಿ ಬಾಯ್ಲ್/ ಸ್ತ್ರೀ
ಪಿಲ್ಯಾದ್	ಪಿಲ್ಯಾದ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ಪಿಲ್ಯಾದ್ ಜೊಡ್‌ಲ್ಲೊ ಚಲೊ / ಚಲಿ
ಸಾಡು	ಭಭಯ್ಣ್ಯಾಂಚೆ ಘೊವ್
ಭಾಂವ್ಡಾಂ	ಘೊವಾಚಿಂ/ಬಾಯ್ಲೆಚಿಂ ಭಾವ್ ಭಯ್ಣಿಂ
ಭಚ್ರಾಂ	ಘೊವಾಕ್ ಅಪ್ಲ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲೆಚಿಂ/ಬಾಯ್ಲೆಕ್ ಅಪ್ಲ್ಯಾ ಘೊವಾಚಿಂ ಭಾವ್ ಭಯ್ಣಿಂ.

अध्याय ७. वोवियांनी संदेश

आमच्या पुर्वजांनी तांच्या आपार जाण्वायेन आनी अनुभवान रचीत केल्ल्यो वोवियो दोन फंग्तिंच्यो तरी तांतूं आटापलेल्यो संग्ती, संदेश, गूंड चिंत्पाक आनी नियाळाक आवकास करनच दिंवचे तसल्यो.

अदली एक सादी वोवी घेवन तिचेर घंव्यागटल्यान विवरण दीवन नियाळ करयेतत तितले विशाल आनी जिण्येक आर्थाभरीत संदेशान भरलेयली जावनासा.

१) 'दोगी तेगी जाजावो सांगाता बसोन माऱ्यां उवो, आयच्यान जाल्यांव धुवो एक्ये आवयिच्यो'.

आयच्या काळार आमचीं कुटमां भोव लान *(Nuclear family)*. पूण आदल्या काळार आमचीं मालघडीं जोड कुटमां *(Joint family)* पद्धत पाळतालीं.

एका कुटमांत आजो-आजी, आवय-बापय, तांचीं भुर्गीं, पूत-सुनों, नात्रां, पोणतुरां, शेणतुरां म्हणोन सुमार ३०-५० जणां एका पाक्या पोंदा जियेतालीं. ह्या कुटमांत मालघडो मनीस येज्मानपण चलयतालो. सागोळी जीवन आदायाक एकच वाट जाल्लेवर्वीं, एका कुटमांत चड जणां सांगाता आसचें वाजबी आनी कृषी वृत्तेक पूरक. त्या देकून हऱ्येका काजारी जोड्याक चडावत उण्यार उणें ८-१२ भुर्गीं आसतालीं. चलियो काजार जावन नवऱ्यागेर वेताना पूत काजार जावन सुनांक घरा हाडताले. एका पाक्या भितर जियेताना स्वार्थपण, अबलेशी आनी वयुक्तीक चिंताप देगेक दवर्न, मोगान, एकवटान, सोडदोड करन् समुदायीक चिंत्पान जियेवंक हर प्रयतन करता लीं.

ह्या वयल्या वोवियेंत 'दोगी तेगी जाजावो'

हांगासर जाजावो म्हळ्यार भाभावांचो बायलो. विवीध कुटमां थावन, पाट भुंय थावन, आर्थीक स्थितेथावन, अलग चिंत्पा थावन, प्रादेशीक मुळाथावन, लग्ना संबंधा मुकांत्र एका कुटमाचे सांदे जातात आनी आशें एका आवयची भुर्ग्यांबरी जावन जियेनासताना निर्वोग ना.

'सांगाता बसोन मारयांग उवो'

अदल्या काळार लोकाक नितळायेची जागृती उणी आसल्ली. दिस्पडतें भोराचो वावर करिजाय पडतालो. नारले?ल तेल पुसून दाट तशें पेंकटा सकयल म्हणासर लांबचे केस बायलांच्या मात्यार सोभताले तरी वावर करताळना मुदो करन शेंडो घालन आंरदू न बांदिजाय आसल्ले. हप्त्याक एक या दोन पावटीं वा सन्वाराचें मात्यार नांवची दसतूर आसल्ली. ह्या वर्वीं तांच्या मात्यार उवो *(Lice)* जांवचे संभव चड आसल्ले. मात्यार जाल्ल्यो उवो सुलभायेन उगवन काडुंक जायनांत. आयचेबरी उवो नास करचेय

ಅಧ್ಯಾಯ್ 7. ವೊವಿಯಾಂನಿ ಸಂದೇಶ್

ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಪುರ್ವಜಾಂನಿ ತಾಂಚ್ಯಾ ಅಪಾರ್ ಜಾಣ್ವಾಯೆನ್ ಆನಿ ಅನುಭವಾನ್ ರಚಿತ್ ಲ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ ದೋನ್ ಘಂಗ್ತಿಂಚ್ಯೊ ತರೀ ತಾಂತುಂ ಆಟಾಪ್ಲೆಲ್ಯೊ ಸಂಗ್ತಿ, ಸಂದೇಶ್, ಂಡ್ ಚಿಂತ್ಪಾಕ್ ಆನಿ ನಿಯಾಳಾಕ್ ಆವ್ಕಾಸ್ ಕರ್ನ್ ದಿಂವ್ಚೆ ತಸಲ್ಯೊ.

ಅದ್ಲಿ ಏಕ್ ಸಾದಿ ವೊವಿ ಘೆವ್ನ್ ತಿಚೆರ್ ಘಂಟ್ಯಾಗಟ್ಲ್ಯಾನ್ ವಿವರಣ್ ದೀವ್ನ್ ನಿಯಾಳ್ ್ತ್ ತಿತ್ಲೆ ವಿಶಾಲ್ ಆನಿ ಜಿಣ್ಯೆಕ್ ಅರ್ಥಾಭರಿತ್ ಸಂದೇಶಾನ್ ಭರ್ಲೆಲಿ ಜಾವ್ನಾಸಾ.

1) 'ದೊಗಿ ತೆಗಿ ಜಾಜಾವೊ ಸಾಂಗಾತಾ ಬಸೊನ್ ಮಾರ್ಯಾಂ ಉವೋ, ಆಯ್ಚ್ಯಾನ್ ಲ್ಯಾಂವ್ ಧುವೋ ಎಕ್ಯೆ ಆವಯಿಚ್ಯೊ'.

ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಆಮ್ಚಿಂ ಕುಟ್ಮಾಂ ಭೋವ್ ಲಾನ್ *(Nuclear family)*. ಪುಣ್ ವ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಆಮ್ಚಿಂ ಮಾಲ್ಘಡಿಂ ಜೋಡ್ ಕುಟ್ಮಾಂ *(Joint family)* ಪದ್ಧತ್ ಳ್ತಾಲಿಂ.

ಎಕಾ ಕುಟ್ಮಾಂತ್ ಆಜೊ-ಆಜಿ, ಆವಯ್-ಬಾಪಯ್, ತಾಂಚಿಂ ಭುರ್ಗಿಂ, ಪೂತ್- ಸೊಂ, ನಾತ್ರಾಂ, ಪೊಣ್ತುರಾಂ, ಶೆಣ್ತುರಾಂ ಮ್ಹಣೊನ್ ಸುಮಾರ್ 30-50 ಜಣಾಂ ಎಕಾ ಕ್ಯಾ ಪೊಂದಾ ಜಿಯೆತಾಲಿಂ. ಹ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಂತ್ ಮಾಲ್ಘಡೊ ಮನಿಸ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಪಣ್ ಲಯ್ತಾಲೊ. ಸಾಗೊಳಿ ಜೀವನ್ ಆದಾಯಾಕ್ ಎಕ್‌ಚ್ ವಾಟ್ ಜಾಲ್ಲೆವರ್ವಿಂ, ಎಕಾ ಟ್ಮಾಂತ್ ಚಡ್ ಜಣಾಂ ಸಾಂಗಾತಾ ಆಸ್ಚೆಂ ವಾಜ್ಜಿ ಆನಿ ಕೃಷಿ ವೃತ್ತೆಕ್ ಪೂರಕ್. ತ್ಯಾ ದೆಕುನ್ ರ್ಯೆಕಾ ಕಾಜಾರಿ ಜೊಡ್ಯಾಕ್ ಚಡಾವತ್ ಉಣ್ಯಾರ್ ಉಣೆಂ 8-12 ಭುರ್ಗಿಂ ಆಸ್ತಾಲಿಂ. ಲಿಯೊ ಕಾಜಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ನವ್ರ್ಯಾಗೆರ್ ವೆತಾನಾ ಪೂತ್ ಕಾಜಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ಸುನಾಂಕ್ ರಾ ಹಾಡ್ತಾಲೆ. ಎಕಾ ಪಾಕ್ಯಾ ಭಿತರ್ ಜಿಯೆತಾನಾ ಸ್ವಾರ್ಥ್‌ಪಣ್, ಅಬ್ಲೆಶಿ ಆನಿ ವಯುಕ್ತಿಕ್ ಂತಾಪ್ ದೆಗೆಕ್ ದವರ್ನ್, ಮೊಗಾನ್, ಎಕ್ವಟಾನ್, ಸೊಡ್‌ದೊಡ್ ಕರ್ನ್ ಸಮುದಾಯಿಕ್ ಂತ್ಪಾನ್ ಜಿಯೆಂವ್ಕ ಹರ್ ಪ್ರಯತನ್ ಕರ್ತಾಲಿಂ.

ಹ್ಯಾ ವಯ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೆಂತ್ 'ದೊಗಿ ತೆಗಿ ಜಾಜಾವೊ'

ಹಾಂಗಾಸರ್ ಜಾಜಾವೊ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಭಾಭಾವಾಂಚೊ ಬಾಯ್ಲೊ. ವಿವಿಧ್ ಕುಟ್ಮಾಂ ಾವ್ನ್, ಪಾಟ್ ಭುಂಯ್ ಥಾವ್ನ್, ಆರ್ಥಿಕ್ ಸ್ಥಿತೆಥಾವ್ನ್, ಅಲಗ್ ಚಿಂತ್ಪಾ ಥಾವ್ನ್, ಪ್ರಾದೇಶಿಕ್ ುಳಾಥಾವ್ನ್, ಲಗ್ನಾ ಸಂಬಂಧಾ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಎಕಾ ಕುಟ್ಮಾಚೆ ಸಾಂದೆ ಜಾತಾತ್ ಆನಿ ಅಶೆಂ ಕಾ ಆವಯ್ಚಿ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಬರಿ ಜಾವ್ನ್ ಜಿಯೆನಾಸ್ತಾನಾ ನಿರ್ವೊಗ್ ನಾ.

'ಸಾಂಗಾತಾ ಬಸೊನ್ ಮಾರ್ಯಾಂ ಉವೋ'

ಅದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಲೊಕಾಕ್ ನಿತಳಾಯೆಚಿ ಜಾಗ್ರತಿ ಉಣಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ದಿಸ್ಪಡ್ತೆಂ ಭೊರಾಚೊ ಾವ್ ಕರಿಜಾಯ್ ಪಡ್ತಾಲೊ. ನಾರ್ಲ್ಲೆಲ್ ತೇಲ್ ಪುಸುನ್ ದಾಟ್ ತಶೆಂ ಪೆಂಕ್ಯಾ ಸಕಯ್ಲ್ ್ಹಣಾಸರ್ ಲಾಂಬ್ಚೆ ಕೇಸ್ ಬಾಯ್ಲಾಂಚ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಸೊಭ್ತಾಲೆ ತರಿ ವಾವ್ರ್ ಕರ್ತಾನಾ ುದೊ ಕರ್ನ್ ಶೆಂಡೊ ಘಾಲ್ನ್ ಆಂಬ್ರುನ್ ಬಾಂದಿಜಾಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ. ಹಪ್ತ್ಯಾಕ್ ಏಕ್ ಯಾ ೋನ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ವಾ ಸನ್ವಾರಾಚೆಂ ಮಾತ್ಯಾರ್ ನಾಂವ್ಚಿ ದಸ್ತುರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ಹ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ಾಂಚ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಉವೊ *(Lice)* ಜಾಂವ್ಚೆ ಸಂಭವ್ ಚಡ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ. ಮಾತ್ಯಾರ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯೊ

तसले शांपू वा साबू तवळ मेळानातल्ले. देकून घरच्यो जाजावो पंग्तीर सांगाता बसोन एकल्याच्या मात्यार आसच्यो उवो आन्येकलेन मारचेंस सोभीत चित्रण ह्या वोवियेंत आटापून आसा.

आपल्या मात्यार आसल्ल्यो उवो आपणाक दिसानांत देकून आपणें त्यो मारुंक जायनांत. ह्या वेळा दूसऱ्यांचो आधार गर्ज आसा.

एकामेका मोगान, सोडदोडेन, होंव्होन, एकेच आवयच्या भुग्र्यांबरी जियेल्यार एकल्यान जायनातल्लें काम आन्येकल्याच्या सहकारान सलीसायेन करयेदता. हांगासर 'हांव', 'म्हजें', म्हण सांगून वयुक्तीक विंगड चिंताप आयलें जाल्यार, कुटमा मधें वांटेफांटे जातात आनी सहकार लाभाना. देकून स्वार्थ आनी वयुक्तीक बरेंपण सांडून, सहकारान, एका आवयच्या भुग्र्यांबरी जियेल्यार हें संसारी कुटमांत सर्गिंचो अनुभव जाता म्हळ्ळो संदेश होकलेक ही वोवी दिता.

२) 'लागीं मांवाडो म्हणोन व्हरेता सदां वचनाका. कांडी बोंडी रांदून वाडल्यार घरा येवन सांगानाका'.

आदल्या काळार आमचे मालघडे सयरीक सोदताना, आपल्या गांवा लागसिली वा सयऱ्यां मदली सोधिनासताना बगार पयसिल्ल्या गांवचीं सयऱ्या धयऱ्यां भायली सोदून काजार करतावलीं.

पयसिलो संबंध सोदल्यार गाद्या सागोळिचें काम संपल्या उपरांत (आटिंत) वा फेसता परबांक काजारी स्त्रीयांनी थोड्या दिसांक आपल्या कुळारा वचोन रावोन पाटीं वेचें आवकास आसल्ले. ह्या वर्वीं तवळ तसल्या धुवांक चड सन्मान आनी गवरव आपल्या कुळारा लाभतलो.

अपरूपशें सेजारा इषटागत जावन वा सयरीक सोधून काजार जाल्लें आसातर आसल्या संदर्भार होकलेक अपलें कुळार आनी नोवऱ्याक आपलो मांवाडो लागीं असा देकून तवळ तवळ कुळारा/मांवाड्या वचोन येंवची वोडनी भोग्ता. आशें कुळार/मांवाडो ससार जाता.

ह्या वोवियेंत, नोवऱ्याक उल्लेक कर्न, लागीं मांवाडो म्हणोन व्हरेता सदां वचानाका, कित्याक, तवळ तवळ वेची तर ससार जाताय आनी अपरूपशें गेल्ल्यावेळा मेळचो मान मेळाना.

देकीक, हें चिंताप आटयताना म्हजो उडास सुमार ४५ वर्सां पाटी धांवता. म्हज्या व्हडल्या भयणिचो घोव म्हणजे भावोजी अपरूपशें वर्साक एक या दोन पावटी मांवाड्या येतालो. सांजेरशें येंवच्या भावोजीक पोळोवन आमकां भुग्र्यांक भारी संतोस. कित्याक तो येतासताना कसलें तरी खाण भुग्र्यांखातीर हाडून येतालो. दूसऱ्यान जांवय मनीस

ವೊ ಸುಲಭಾಯೆನ್ ಉಗವ್ತ್ ಕಾಡುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾಂತ್. ಆಯ್ವೆಬರಿ ಉವೊ ನಾಸ್ ಕರ್ತೆ
ಲೆ ಶಾಂಪೂ ವಾ ಸಾಬು ತವಳ್ ಮೆಳಾನಾತ್ಲ್ಲೆ. ದೆಕುನ್ ಘರ್‍ಗ್ರ್ಯಾ ಜಾಜಾವೊ ಪಂಗ್ತಿರ್
ಂಗಾತಾ ಬಸೊನ್ ಎಕ್ಲ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಉವೊ ಆನ್ಯೆಕ್ಲೆನ್ ಮಾರ್ಚೆಂ ಸೊಭಿತ್
ಣ್ ಹ್ಯಾ ವೊವಿಯೆಂತ್ ಆಟಾಪುನ್ ಆಸಾ.

ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಆಸ್ಲ್ಯೊ ಉವೊ ಆಪ್ಲ್ಯಾಕ್ ದಿಸಾನಾಂತ್ ದೆಕುನ್ ಆಪ್ಲೆಂ ತ್ಯೊ
ರುಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾಂತ್. ಹ್ಯಾ ವೆಳಾ ದುಸ್ರ್ಯಾಂಚೊ ಆಧಾರ್ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ.

ಏಕಾಮೆಕಾ ಮೊಗಾನ್, ಸೊಡ್‌ದೊಡೆನ್, ಹೊಂದ್ವೊನ್, ಏಕೆಚ್ ಆವಯ್ಚ್ಯಾ
ಗರ್ಭಾಂಬರಿ ಜಿಯೆಲ್ಯಾರ್ ಏಕ್ಲ್ಯಾನ್ ಜಾಯ್ನಾತ್ಲ್ಲೆಂ ಕಾಮ್ ಆನ್ಯೇಕ್ಲ್ಯಾಚ್ಯಾ ಸಹಕಾರಾನ್
ಲೀಸಾಯೆನ್ ಕರ್ತಾ. ಹಾಂಗಾಸರ್ 'ಹಾಂವ್', 'ಮ್ಹಜೆಂ', ಮ್ಹಣ್ ಸಾಂಗುನ್ ವಯುಕ್ತಿಕ್
ಂಗಡ್ ಚಿಂತಾಪ್ ಆಯ್ಲೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್, ಕುಟ್ಮಾ ಮಧೆಂ ವಾಂಟೆಘಾಂಟೆ ಜಾತಾತ್
ಿ ಸಹಕಾರ್ ಲಾಭಾನಾ. ದೆಕುನ್ ಸ್ವಾರ್ಥ್ ಆನಿ ವಯುಕ್ತಿಕ್ ಬರೆಂಪಣ್ ಸಾಂಡುನ್,
ಹಕಾರಾನ್, ಏಕಾ ಆವಯ್ಚ್ಯಾ ಘುಗರ್ಭಾಂಬರಿ ಜಿಯೆಲ್ಯಾರ್ ಹೆಂ ಸಂಸಾರಿ ಕುಟ್ಮಾಂತ್
ರ್ಭಾಂಚೊ ಅನುಭವ್ ಜಾತಾ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಸಂದೇಶ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಹಿ ವೊವಿ ದಿತಾ.

2) 'ಲಾಗಿಂ ಮಾಂವಾಡೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ವ್ಹರೆತಾ ಸದಾಂ ವಚನಾಕಾ. ಕಾಂಡಿ ಜೊಂಡಿ
ಂದುನ್ ವಾಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಘರಾ ಯೇವ್ನ್ ಸಾಂಗಾನಾಕಾ'.

ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಆಮ್ಚೆ ಮಾಲ್ಘಡೆ ಸಯ್ರಿಕ್ ಸೊದ್ತಾನಾ, ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಗಾಂವಾ ಲಾಗ್ಲಿ
ಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂ ಮಧ್ಲಿ ಸೊಧಿನಾಸ್ತಾನಾ ಬಗಾರ್ ಪಯ್ಸಿಲ್ಯಾ ಗಾಂವ್ಚಿಂ ಸಯ್ರ್ಯಾ ಧಯ್ರ್ಯಾಂ
ಾಯ್ಲಿ ಸೊದುನ್ ಕಾಜಾರ್ ಕರ್ತಾಲಿಂ.

ಪಯ್ಸಿಲೊ ಸಂಬಂಧ್ ಸೊದ್ಲ್ಯಾರ್ ಗಾದ್ಯಾ ಸಾಗೊಳಿಚೆಂ ಕಾಮ್ ಸಂಪ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್
ಆಟಂತ್) ವಾ ಫೆಸ್ತಾ ಪರ್ಬಾಂಕ್ ಕಾಜಾರಿ ಸ್ತ್ರೀಯಾಂನಿ ಥೊಡ್ಯಾ ದಿಸಾಂಕ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ
ಳಾರಾ ವಚೊನ್ ರಾವೊನ್ ಪಾಟಿಂ ವೆಚೆಂ ಅವ್ಕಾಸ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ. ಹ್ಯಾ ವರ್ಸಾಂ ತವಳ್
ಸಲ್ಯಾ ಧುವಾಂಕ್ ಚಡ್ ಸನ್ಮಾನ್ ಆನಿ ಗವ್ರವ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಕುಳಾರಾ ಲಾಭ್ತಾಲೊ.

ಅಪ್ರೂಪ್‌ಶೆಂ ಸೆಜಾರಾ ಇಷ್ಟಾಗತ್ ಜಾವ್ನ್ ವಾ ಸಯ್ರಿಕ್ ಸೊಧುನ್ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲ್ಲೆಂ
ಸಾತರ್ ಆಸಲ್ಯಾ ಸಂದರ್ಭಾರ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಅಪ್ಲೆಂ ಕುಳಾರ್ ಆನಿ ನೊವ್ರ್ಯಾಕ್ ಅಪ್ಲೊ
ಮಾಂವಾಡೊ ಲಾಗಿಂ ಅಸಾ ದೆಕುನ್ ತವಳ್ ತವಳ್ ಕುಳಾರಾ/ಮಾಂವಾಡ್ಯಾ ವಚೊನ್
ಮೆಂಪ್ಸ್ ವೊಡ್ಣಿ ಘೊಗ್ತಾ. ಅಶೆಂ ಕುಳಾರ್/ಮಾಂವಾಡೊ ಸಸಾರ್ ಜಾತಾ.

ಹ್ಯಾ ವೊವಿಯೆಂತ್, ನೊವ್ರ್ಯಾಕ್ ಉಲ್ಲೇಕ್ ಕರ್ನ್, ಲಾಗಿಂ ಮಾಂವಾಡೊ ಮ್ಹಣೊನ್
ವ್ಹರೆತಾ ಸದಾಂ ವಚಾನಾಕಾ. ಕಿತ್ಯಾಕ್, ತವಳ್ ತವಳ್ ವೆಚಿ ತರ್ ಸಸಾರ್ ಜಾತಾಯ್ ಆನಿ
ಅಪ್ರೂಪ್‌ಶೆಂ ಗೆಲ್ಯಾವೆಳಾ ಮೆಳ್ಚೊ ಮಾನ್ ಮೆಳಾನಾ.

ವೆಕಿಕ್, ಹೆಂ ಚಿಂತಾಪ್ ಆಟಯ್ತಾನಾ ಮ್ಹಜೊ ಉಡಾಸ್ ಸುಮಾರ್ 45 ವರ್ಸಾಂ ಪಾಟಿ
ಾಂವ್ತಾ. ಮ್ಹಜ್ಯಾ ವ್ಹಡ್ಲ್ಯಾ ಭಯ್ಣಿಚೊ ಘೊವ್ ಮ್ಹಗೆಲೆ ಭಾವೊಜಿ ಅಪ್ರೂಪ್‌ಶೆಂ ವರ್ಸಾಕ್ ಏಕ್
ಯಾ ದೋನ್ ಪಾವ್ಟಿ ಮಾಂವಾಡ್ಯಾ ಯೆತಾಲೊ. ಸಾಂಜೆರ್‌ಶೆಂ ಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಭಾವೊಜಿಕ್
ಪ್ರೀಳೊವ್ನ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಭುಗರ್ಯಾಂಕ್ ಭಾರಿ ಸಂತೊಸ್. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ತೊ ಯೆತಾಸ್ತಾನಾ ಕಸಲೆಂ
ರಿ ಖಾಣ್ ಭುಗರ್ಯಾಂಖಾತಿರ್ ಹಾಡುನ್ ಯೆತಾಲೊ. ದುಸ್ರ್ಯಾನ್ ಜಾಂವಯ್ ಮನಿಸ್
ಯ್ಲೊ ಮ್ಹಣ್ತಾನಾ ಮಾನಾಚೊ ಸಯ್ರೊ ಆಯಿಲ್ಲೆಬರಿ. ದೆಕುನ್ ಜೊಗಾಸಾಣೆನ್ ಪೊಸುನ್

अयलो म्हणताना मानाचो सयरो आयिल्लेबरी. देकून जोगासाणेन पोसून दवरल्ल गांवटी कोंबो (कुंकाड) त्या दिसा सांजेर घुडांत थावन वा रुकार थावन सोधून काड वा ताची पाट धरन धांवडांवन रांदून जांव्याक सन्मान करची? रिवाज. ह्या वेळा आमकां भुर्ग्यांक कुंकडाची एक पोड आनी पोळी अपरूप मेळता म्हळ्ळी खात्र सांगाताच मांवान मानाच्या सयऱ्यांक म्हण धर्नी पोंदा पूरनम दवरल्ली अपूट काजुच काल्दी त्या दीस मात्र भायर येताली. जरतर जांवय तवळ तवळ आयलो जाल्यार असल मान ताका मेळतावे? देकून ह्या वोवियेंत लार्गी मांवाडो म्हणोन व्हरेता सदां वचनाक तूं ससार जाताय म्हळ्ळो संदेश स्पषट आसा.

तवळ तवळ मांवाड्या गेल्यार जांव्याक बरो मान दीवना म्हण शीण भोगचो सहज चिल्लर, आंतरीक तशें वयुक्तीक विषय अदल बदल जावन कुटमांच्या एकवटाव मारेकार जाता. मांवाड्या थंयसर रांदल्लें खायजाय पडता. सागोळेच्या कुटमांनी कितें हेर रांद्वय वा इतर वसतू मेळानातल्ल्या वेळार तोटांत घडायाचीं केळीं मोटीं पोडाजव म्हण बोंडी मोडतात आनी ती बोंडी रांदून निसत्याक उपयोग करतालत. तशेंच घडाय जून जाल्या उपरांत केंळबो कातरनो ताचीं फाळेतां काडन ताचो बोंडू विंगड करतातत हाका कांडी म्हणतात. ही कांडी निसत्याक उपयोग करताचत.

देकून ह्या वोवियेंत उल्लेक केल्लेबरी मांवाड्या कांय हेर वसतू नातल्ल्या वेळार कांडी बोंडी जर रांदून वाडल्यार घरा येवन मांवाड्याच्यांक हल्क करचे?बरी 'कांडी बोंडी रांदून वाडली' म्हण सांगानाका. कित्याक, सांगलें जाल्यार होकलेक अक्मान जावन उणेपण जाता. आपल्या आवय बापयक हिणसिलें म्हण मनसताप उबजोंक साध्य आसा. संगीं होकलेच्या कुटमाची मऱ्याद उणी जाता. देकून तवळ तवळ मांवाड्या वेच्य नोवऱ्यान, मांवाड्या कांडी बोंडी वा हेर कितेंयी उण्या मट्टाचें रांदप केल्यारी आपल्य बायले मुकार आनी कुटमाच्या सांद्यां मुकार उंचल्या मट्टाचें जेवाण करनय सन्मान केल्लेबरी शाभासकी उचारल्या र घोवा बायले मधलो तशेंच कुटमां मधलो संबंध वृद्धी जाता म्हळ्ळो गूंड संदेश ह्या वोवियेंत आटापून आसा.

३) काजार जालोय म्हण व्हड जायनाका, आवय बापायक व्हरेता सांडून घालिनाका.

काजार जातां म्हणासर एक चलो/चली आपल्या अवय बापायचेर अवलंबीत आसतात. काजार जाता म्हणासर पूत कितलोयी व्हड, बुद्वंत वा नांवाडदीक जांव आवय बापयक तो पूतच्च. काजार जाल्या उपरांती ह्या पुतान अपूण अतां व्हड जाला, बुद्वंत जालां, नांवाडदीक जालां म्हळ्ळो हंकार वा रुबाव दाखवंक नजो. उतर प्रायेर पावल्ल्या आपल्या आवय बापायक काजार जालेल्या तरन्या जोड्यांनीं चडीत जतन घेजय. तांकां विधेय जायजाय. उतर प्रायेर आपली आवय बापय एक वजें म्हण चिंतून

ರ್‌ಲ್ಲೊ ಗಾಂಪ್ಟಿ ಕೊಂಬೊ (ಕುಂಕಾಡ್) ತ್ಯಾ ದಿಸಾ ಸಾಂಜೆರ್ ಘುಡಾಂತ್ ಥಾವ್ನ್ ವಾ ಾರ್ ಥಾವ್ನ್ ಸೊಧುನ್ ಕಾಡ್ನ್ ವಾ ತಾಚಿ ಪಾಟ್ ಧರ್ನ್ ಧಾಂವ್ಡಾಂವ್ನ್ ರಾಂದುನ್ ಂವ್ಯಾಕ್ ಸನ್ಮಾನ್ ಕರ್ಚೊ ರಿವಾಜ್. ತ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ಕುಂಕ್ಡ್ಯಾಚಿ ಎಕ್ ಡ್ ಆನಿ ಪೊಳಿ ಅಪ್ರೂಪ್ ಮೆಳ್ತಾ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಖಾತ್ರಿ. ಸಾಂಗಾತಾಚ್ ಮಾಂವಾನ್ ಮಾನಾಚ್ಯಾ ಮ್ರ್ಯಾಂಕ್ ಮ್ಹಣ್ ಧರ್ನಿ ಪೊಂದಾ ಪೂರ್ನ್ ದವರ್‌ಲ್ಲಿ ಅಪುಟ್ ಕಾಜುಚಿ ಕಾಲ್ಪಿ ತ್ಯಾ ದೀಸ್ ಅತ್ ಭಾಯ್ರ್ ಯೆತಾಲಿ. ಜರ್‌ತರ್ ಜಾಂವಯ್ ತವಳ್ ತವಳ್ ಆಯ್ಲೊ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಲೊ ಮಾನ್ ತಾಕಾ ಮೆಳ್ತಾವೇ? ದೆಕುನ್ ಹ್ಯಾ ವ್ಹೊವಿಯೆಂತ್ ಲಾಗಿಂ ಮಾಂವಾಡೊ ಘೊನ್ ವ್ಹರೆತಾ ಸದಾಂ ವಚನಾಕಾ, ತುಂ ಸಸಾರ್ ಜಾತಾಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಸಂದೇಶ್ ಸ್ಪಷ್ಟ ಾ.

ತವಳ್ ತವಳ್ ಮಾಂವಾಡ್ಯಾ ಗೆಲ್ಯಾರ್ ಜಾಂವ್ಯಾಕ್ ಬರೊ ಮಾನ್ ದೀವ್ನಾ ಮ್ಹಣ್ ್ ಭೊಗ್ಚೊ ಸಹಜ್. ಚಿಲ್ಲರ್, ಅಂತರಿಕ್ ತಶೆಂ ವಯುಕ್ತಿಕ್ ವಿಷಯ್ ಅದಲ್ ಬದಲ್ ವ್ನ್ ಕುಟ್ಮಾಂಚ್ಯಾ ಎಕ್ವಟಾಕ್ ಮಾರೆಕಾರ್ ಜಾತಾ. ಮಾಂವಾಡ್ಯಾ ಥಂಯ್ಸರ್ ರಾಂದ್‌ಲ್ಲೆಂ ಯ್ಹಾಯ್ ಪಡ್ತಾ. ಸಾಗೊಳೆಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಂನಿ ಕಿತೆಂಯ್ ಹೆರ್ ರಾಂದ್ವಯ್ ವಾ ಇತರ್ ಸ್ತು ಮೆಳಾನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ತೊಟಾಂತ್ ಘಡಾಯಾಚಿಂ ಕೆಳಿಂ ಮೊಟಂ ಪೊಡಾಜಯ್ ಣ್ ಬೊಂಡಿ ಮೊಡ್ತಾತ್ ಆನಿ ತಿ ಬೊಂಡಿ ರಾಂದುನ್ ನಿಸ್ತ್ಯಾಕ್ ಉಪಯೋಗ್ ಕರ್ತಾತ್. ಶೆಂಚ್ ಘಡಾಯ್ ಜೂನ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಕೆಂಳ್ಯೊ ಕಾತರ್ನ್ ತಾಚಿಂ ಫಾಳೆತಾಂ ಕಾಡ್ನ್ ಚೊ ಬೊಂಡು ವಿಂಗಡ್ ಕರ್ತಾತ್. ಹಾಕಾ ಕಾಂಡಿ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್. ಹಿ ಕಾಂಡಿ ನಿಸ್ತ್ಯಾಕ್ ಪಯೋಗ್ ಕರ್ತಾತ್.

ದೆಕುನ್ ಹ್ಯಾ ವ್ಹೊವಿಯೆಂತ್ ಉಲ್ಲೇಕ್ ಕೆಲ್ಲೆಬರಿ ಮಾಂವಾಡ್ಯಾ ಕಾಂಯ್ ಹೆರ್ ವಸ್ತು ತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವೆಳಾರ್, ಕಾಂಡಿ ಬೊಂಡಿ ಜರ್ ರಾಂದುನ್ ವಾಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಘರಾ ಯೇವ್ನ್ ಮಾಂವಾಡ್ಯಾಚ್ಯಾಂಕ್ ಹಲ್ಕ್ಯ ಕರ್ಚೆಬರಿ 'ಕಾಂಡಿ ಬೊಂಡಿ ರಾಂದುನ್ ವಾಡ್ಲಿ' ಮ್ಹಣ್ ಂಗಾನಾಕಾ. ಕಿತ್ಯಾಕ್, ಸಾಂಗ್ಲೆಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಅಕ್ಮಾನ್ ಜಾವ್ನ್ ಉಣೆಪಣ್ ಜಾತಾ. ಪ್ಲ್ಯಾ ಆವಯ್ ಬಾಪಯ್ಕ್ ಹಿಣ್ಸಲೆಂ ಮ್ಹಣ್ ಮನಸ್ತಾಪ್ ಉಬ್ಜೊಂಕ್ ಸಾಧ್ಯ್ ಆಸಾ. ಸಂಗಿಂ ಹೊಕ್ಲೆಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಚಿ ಮರ್ಯಾದ್ ಉಣಿ ಜಾತಾ. ದೆಕುನ್ ತವಳ್ ತವಳ್ ಮಾಂವಾಡ್ಯಾ ಚ್ಯಾ ನೊವ್ರ್ಯಾನ್, ಮಾಂವಾಡ್ಯಾ ಕಾಂಡಿ ಬೊಂಡಿ ವಾ ಹೆರ್ ಕಿತೆಂಯಿ ಉಣ್ಯಾ ಮಟ್ಟಾಚೆಂ ಾಂದಪ್ ಕೆಲ್ಯಾರೀ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಬಾಯ್ಲೆ ಮುಕಾರ್ ಆನಿ ಕುಟ್ಮಾಚ್ಯಾ ಸಾಂದ್ಯಾಂ ಮುಕಾರ್ ಉಂಚ್ಲ್ಯಾ ಮಟ್ಟಾಚೆಂ ಜೆವಾಣ್ ಕರ್ನ್ ಸನ್ಮಾನ್ ಕೆಲ್ಲೆಬರಿ ಶಾಭಾಸ್ಕಿ ಉಚಾರ್ಲ್ಯಾರ್ ಘೊವಾ ಾಯ್ಲೆ ಮಧ್ಲೊ ತಶೆಂಚ್ ಕುಟ್ಮಾಂ ಮಧ್ಲೊ ಸಂಬಂಧ್ ವೃದ್ಧಿ ಜಾತಾ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಗೂಂಡ್ ಸಂದೇಶ್ ಹ್ಯಾ ವ್ಹೊವಿಯೆಂತ್ ಆಟಾಪ್ಲುನ್ ಆಸಾ.

3) ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲೊಯ್ ಮ್ಹಣ್ ವ್ಹಡ್ ಜಾಯ್ನಾಕಾ. ಆವಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ವ್ಹರೆತಾ ಾಂಡುನ್ ಘಾಲಿನಾಕಾ.

ಕಾಜಾರ್ ಜಾತಾಂ ಮ್ಹಣಾಸರ್ ಎಕ್ ಚೆಲೊ/ಚೆಲಿ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಆವಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಚೆರ್ ಅವಲಂಬಿತ್ ಆಸ್ತಾತ್. ಕಾಜಾರ್ ಜಾತಾ ಮ್ಹಣಾಸರ್ ಪೂತ್ ಕಿತ್ಲೊಯಿ ವ್ಹಡ್, ಬುದ್ವಂತ್ ವಾ ಾಂವಾಡ್ಚಿಕ್ ಜಾಂವ್, ಆವಯ್ ಬಾಪಯ್ಕ್ ತೊ ಪೂತ್‌ಚ್. ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತೀ ್ಯಾ ಪುತಾನ್ ಅಪ್ಣ್ ಅತಾಂ ವ್ಹಡ್ ಜಾಲಾಂ, ಬುದ್ವಂತ್ ಜಾಲಾಂ, ನಾಂವಾಡ್ಚಿಕ್ ಜಾಲಾಂ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಹುಂಕಾರ್ ವಾ ರುಬಾವ್ ದಾಖಂವ್ಕ್ ನಜೊ. ಉತರ್ ಪ್ರಾಯೆಕ್ ಪಾವ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಆವಯ್ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲೆಲ್ಯಾ ತರ್ನ್ಯಾ ಜೊಡ್ಯಾಂನಿಂ ಚಡಿತ್ ಜತನ್ ಘೆಜಯ್.

तांकां असऱ्यांत दवरुंक प्रयत्न करचें? वा तांकां सांडून विंगड घर करन रांवचें सा न्हंय. आशें केल्यार देवाचो आशीर्वाद तांकां बिल्कूल नां म्हळ्ळो संदेश ह्या वोवि आसा.

देकून केद्या उंचल्या मट्टाच्या चलियेलागीं लग्न जाल्यारी, पुतान ताच्या आ बापयक आधार दीजय. सुनेन आपल्या मांय मांवाक तांकां मोगान पळेजाय. प्रायेर आवय बापय एक वजें म्हण चिंतून तांकां हल्क करना तांचें मन बिल्कूल दुखवंक न म्हण ही वोवी पुताक चत्राय दिता.

४) सकाळीं उटोन केळीक घाल गोबर, घोवागेली खबर सांगोनाका आवयगेर.

काजार जाल्या उपरांत चलियेक आपल्या नोवऱ्याचें घर शाश्वीत. आदल्या काळ आवय बापय काजार जांवच्या आपल्या धुवेक ह्या विशीं सार्की समजणी दिताल कितें कषट, मनासताप, चूक चिंताप, आर्थीक आडचण, पिडाशिडा आयल्यारी काज जाल्ल्या चलियेन आपणाक जायिना म्हण कुळारा धांवोन येंवचें अपरूपशें आयकों मेळतालें. आसल्या आगाध सोडदोड, समजणी आनी समर्पणाच्या स्पिरितान जियेंवच काजारी स्त्रीयेक जिण्येचे कषट फूड करुंक तरबेती मेळताली. देकून म्हण दिसत अदल्या काळार लग्न विच्छेदन म्हळ्ळी गजाल आपरूपशें आयकोंक मेळताली.

पूण आजकाल अधुनीक काळाच्या वोस्याक वळग जावन चिल्लर कारणां लागोन काजार जाल्ली चली आपल्या नोवऱ्याक सांडून कुळारा येवन बसचें आनी हाव आयच्या आधुनीक व्हडिलांनी स्वार्थी मनोभावान 'नोवऱ्याच्या घरा पाटीं वचानाक आमच्या घराच राव' म्हळ्ळ्या मनोभावान आसताना लग्ना विच्छेदनाक परोक्ष थरा प्रोत्साह दिल्लेबरी दिसता.

आदल्या काळार जरतर कितें समस्ये जावन चली कुळारा वचोन आपले समस सांगात जाल्यार अवय बापय धुवेक समजणी दीवन पाटीं धाडतालीं. ह्या वोविये काजार जाल्ल्या होकलेक आपल्या नोवऱ्याच्या घरा कितेंय चडुणें वा मनसता उबजालो जाल्यार वा कितेंयी इल्ली इजा सोसुंक मेळता तें सगळें कुळारा वचो सांगिनाका बगार तुज्या नोवऱ्याच्या घराच सोडदोड करन जियेवंक उलो दिता. आ जरतर नोवऱ्याच्या घरा जाल्लो मनसताप कुळारा वचोन सांगल्यार, झगडीं, मनाभे आनी विरोदपण जातेलें म्हळ्ळो हिशारो ही वोवियेंत होकलेक मेळता.

ಕಾಂ ಪಿಧೇಯ್ ಜಾಯ್ನಾಯ್. ಉತರ್ ಪ್ರಾಯೆರ್ ಆಪ್ಲಿ ಆವಯ್ ಬಾಪಯ್ ಎಕ್ ಮ್ಹಣ್ ಚಿಂತುನ್ ತಾಂಕಾಂ ಅಸ್ರಾ್ಯಂತ್ ದವರುಂಕ್ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರ್ಚೆಂ ವಾ ತಾಂಕಾಂ ಡುನ್ ಪಿಂಗಡ್ ಘರ್ ಕರ್ನ್ ರಾಂವ್ಚೆಂ ಸಾರ್ಕೆಂ ನ್ಹಂಯ್. ಆಶೆಂ ಕೆಲ್ಯಾರ್ ದೆವಾಚೊ ರ್ವಾದ್ ತಾಂಕಾಂ ಜಿಲ್ಕುಲ್ ನಾಂ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಸಂದೇಶ್ ಹ್ಯಾ ವೊವಿಯೆಂತ್ ಆಸಾ.

ದೆಕುನ್ ಕೆದ್ನಾ ಉಂಚ್ಲ್ಯಾ ಮಟ್ಟಾಚ್ಯಾ ಚಲಿಯೆಲಾಗಿಂ ಲಗ್ನ್ ಜಾಲ್ಯಾರಿ, ಪುತಾನ್ ನ್ಯಾ ಆವಯ್ ಬಾಪಯ್ಕ್ ಆಧಾರ್ ದೀಜಯ್. ಸುನೆನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಮಾಂಯ್ ಮಾಂವಾಕ್ ಕಾಂ ಮೊಗಾನ್ ಪಳೆಜಾಯ್. ಪ್ರಾಯೆಸ್ತ್ ಆವಯ್ ಬಾಪಯ್ ಎಕ್ ವಜೆಂ ಮ್ಹಣ್ ತುನ್ ತಾಂಕಾಂ ಹಲ್ಕ್ ಕರ್ನ್ ತಾಂಚೆಂ ಮೆನ್ ಬಿಲ್ಕುಲ್ ದುಖಂವ್ಕ್ ನಜೊ ಮ್ಹಣ್ ಹಿ ವಿ ಪುತಾಕ್ ಚತ್ರಾಯ್ ದಿತಾ.

4) ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ಕೆಳಿಕ್ ಫಾಲ್ ಗೊಬರ್, ಘೊವಾಗೆಲಿ ಖಬರ್ ಸಾಂಗೊನಾಕಾ ಯ್‌ಗೆರ್.

ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಚಲಿಯೆಕ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ನೊವ್ರ್ಯಾಚೆಂ ಘರ್ ಶಾಶ್ವಿತ್. ಸ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಆವಯ್ ಬಾಪಯ್ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಂವ್ಚ್ಯಾ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ಧುವೆಕ್ ಹ್ಯಾ ವಿಶಿಂ ರ್ಕ ಸಮ್ಜಣಿ ದಿತಾಲಿಂ. ಕಿತೆಂ ಕಷ್ಟ್, ಮನಾಸ್ತಾಪ್, ಚೂಕ್ ಚಿಂತಾಪ್, ಆರ್ಥಿಕ್ ಆಡ್ಚಣ್, ಕಾಶಿತಾ ಆಯ್ಲ್ಯಾರೀ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಚಲಿಯೆನ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾರ್ ಜಾಯಿನಾ ಮ್ಹಣ್ ರಾ ಧಾಂವೊನ್ ಯೆಂವ್ಚೆಂ ಅಪ್ರೂಪ್‌ಶೆಂ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾಲೆಂ. ಆಸಲ್ಯಾ ಆಗಾಧ್ ಡ್‌ದೊಡ್, ಸಮ್ಜಣಿ ಆನಿ ಸಮರ್ಪಣಾಚ್ಯಾ ಸ್ಥಿರಿತಾನ್ ಜಿಯೆಂವ್ಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಿ ಸ್ತ್ರೀಯೆಕ್ ಸ್ಟೆಚೆ ಕಷ್ಟ್ ಫುಡ್ ಕರುಂಕ್ ತರ್ಜೆತಿ ಮೆಳ್ತಾಲಿ. ದೆಕುನ್ ಮ್ಹಣ್ ದಿಸ್ತಾ, ಅದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಗ್ನ್ ಪಿಚ್ಚೇದನ್ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಗಜಾಲ್ ಆಪ್ರೂಪ್‌ಶೆಂ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾಲಿ.

ಪುಣ್ ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ಅಧುನಿಕ್ ಕಾಳಾಚ್ಯಾ ವೊಸ್ತ್ರಾಕ್ ವಳಗ್ ಜಾವ್ನ್ ಚಿಲ್ಲರ್ ಕಾರಾಣಾಂಕ್ ಗೊನ್ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲ್ಲಿ ಚಲಿ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ನೊವ್ರ್ಯಾಕ್ ಸಾಂಡುನ್ ಕುಳಾರಾ ಯೇವ್ನ್ ಬಸ್ಚೆಂ ನಿ ಹಾಕಾ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಆಧುನಿಕ್ ವ್ಹಡಿಲಾಂನಿ ಸ್ವಾರ್ಥಿ ಮನೋಭಾವಾನ್ 'ನೊವ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ರಾ ಪಾಟಿಂ ವಚಾನಾಕಾ, ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾಚ್ ರಾವ್' ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ಮನೋಭಾವಾನ್ ಆಸ್ತಾನಾ ಗ್ನ್ ಪಿಚ್ಚೇದನಾಕ್ ಪರೋಕ್ಷ್ ಥರಾನ್ ಪ್ರೋತ್ಸಾಹ್ ದಿಲ್ಲೆಬರಿ ದಿಸ್ತಾ.

ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಜರ್‌ತರ್ ಕಿತೆಂ ಸಮಸ್ಯೆ ಜಾವ್ನ್ ಚಲಿ ಕುಳಾರಾ ವಚೊನ್ ಆಪ್ಲೆ ಮಸ್ಯೆ ಸಾಂಗಾತ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಅವಯ್ ಬಾಪಯ್ ಧುವೆಕ್ ಸಮ್ಜಣಿ ದೀವ್ನ್ ಪಾಟಿಂ ಡ್ತಾಲಿಂ. ಹ್ಯಾ ವೊವಿಯೆಂತ್ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಆಪ್ಲ್ಯಾ ನೊವ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ತೆಂಯ್ ಚಡುಣೆಂ ವಾ ಮನಸ್ತಾಪ್ ಉಬ್ಜಾಲೊ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ವಾ ಕಿತೆಂಯಿ ಇಲ್ಲಿ ಇಜಾ ಸುಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾ ತೆಂ ಸಗ್ಳೆಂ ಕುಳಾರಾ ವಚೊನ್ ಸಾಂಗಿನಾಕಾ ಬಗಾರ್ ತುಜ್ಯಾ ನೊವ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ರಾಚ್ ಸೊಡ್‌ದೊಡ್ ಕರ್ನ್ ಜಿಯೆಂವ್ ಉಲೊ ದಿತಾ. ಆನಿ ಜರ್‌ತರ್ ನೊವ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ರಾ ಜಾಲ್ಲೊ ಮನಸ್ತಾಪ್ ಕುಳಾರಾ ವಚೊನ್ ಸಾಂಗ್ಲ್ಯಾರ್, ಝುಗ್ಡಿಂ, ಮನಾಭೇದ್ ಆನಿ ರೋಧ್ವಣ್ ಜಾತೆಲೆಂ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಪಿಶಾರೊ ಹಿ ವೊವಿಯೆಂತ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಮೆಳ್ತಾ.

अध्याय ८. वोवी पंताट
(गायिल्ल्यावोवियेक जवाब जावन वोवी)

आदीं रोसा माटवांत वोवियो सांग्तां सांग्तां दोन पाडतीं मधें वोवियां पंता चल्तालो. एका पाडतिच्यान एक वोवी सांगली तर ताका जवाब जावन तक्षण आन्ये वोवी थंयच घडन सांग्तालीं. ह्या स्पर्ध्याक वोवी पंताट वा वाद विवाद वोवियो म्हणता हांगासर राग-द्वेश ना बगार मनोरंजन आनी वोवियो म्हणताल्यांची बुद्वंत्काय पार्कुं मात्र आमच्या मालघड्यांचो उद्देश जावनासल्लो.

- रुकार पिकला पोणोस मुळीं पडतीत भिकणां, अयकानाका शिकणां होरेता होकलेचीं.

जः लोबांगेलो चलो गुणांचो फेर्गो, शिकणां आयकोंचो नैं भुर्गो आमचो होरेत बाब

- गर्दानाच्या गोव्यांत सोभाय दितात गोवळी, भुर्गीं जांवदीत जोवळीं आमच्या होकलेक.

जः घराच्या पाक्यार कावळो कर्ता काका, जोवळीं जाल्यार एक म्हाका, एक तुका.

- कायलीर घाल्लो पोळो कर्पोन काळो जालो, व्हरेतान मारलो दोळो आमच्या व्हकलेक.

जः कोड्याळचे पेंटेंत विकुंक घालां आंगलें, दोळो मारलो म्हणोन तुमकां कोणे सांगलें?

- होरेत आमचो बाब आंबाडे दाडायतालो, काजार जायना म्हणोन आमकां हेडायतालो.

जः ताणें धाडायलेले आंबाडे आमीं दाडांवचे नैं, वोवळ्यानीं चिडांवचें नैं. आमच्या होरेताक

- हालोन धलोन पाव्यार दांवता रैल, भारी कर्ता स्टायल होकले भैण तुजी.

जः राण्येच्या मुकुटाक सोभाय दिता थीक, स्टैल कर्चें हक्क होकले भैणिचें.

- मांद्री सोडवन मांद्रेर दवरलें उशें, कोणें केलें पिशे होकलेक काजाराचें.

जः भात बडयताना उबली भाताची कूस, प्रायेची दोस तुका जाल्ल्या बरीच.

- भितरल्या कुडांत माजारगी हसत, सदां पिडेसत व्हकले मांय तुजी.

जः मांय पिडेसत म्हण नाका करुंक चिंता, लागसार दाक्तेर आसा वकत दीवन बरें कर्ता.

- लिंबो कात्रून केलें शरबत, दवलतेचो कोंबलो आमचो होरेत.

जः आंबो तासून आंब्याचो केलो कोचोर, दवलतेचो कोंबलो म्हणोन तुमकां कित्याक मोसोर?

- हाडांक मारुंक कोयतो मासाक घालुंक शिर्को, पयलो जांव चेको आमच्याहोकलेक.

जः मिलार मारली घांट, रुजाय जाली टांव, चेर्को जाल्यार जांव पिल्याद जोडत हांव.

ಅಧ್ಯಾಯ್ 8. ವೊವಿ ಪಂತಾಟ್

(ಗಾಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೆಕ್ ಜವಾಬ್ ಜಾವ್ನ್ ವೊವಿ)

ಆದಿಂ ರೊಸಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ವೊಪಿಯೊ ಸಾಂಗ್ತಾಂ ಸಾಂಗ್ತಾಂ ದೋನ್ ಪಾಡಿಂ ಮಧೆಂ ...ಪಿಯಾಂ ಪಂತಾಟ್ ಚಲ್ತಾಲೊ. ಎಕಾ ಪಾಡ್ತಿಚ್ಯಾನ್ ಏಕ್ ವೊಪಿ ಸಾಂಗ್ಲಿ ತೆರ್ ತಾಕಾ ...ಬ್ ಜಾವ್ನ್ ತಕ್ಷಣ್ ಆನ್ಯೇಕ್ ವೊಪಿ ಥಂಯ್ಸ್ಟ್ ಫಡ್ನ್ ಸಾಂಗ್ತಾಲಿಂ. ಹ್ಯಾ ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಕ್ ...ಪಿ ಪಂತಾಟ್ ವಾ ವಾದ್ ಪಿವಾದ್ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್. ಹಾಂಗಾಸರ್ ರಾಗ್-...ಶ್ ನಾ ಬಗಾರ್ ಮನೋರಂಜನ್ ಆನಿ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾಲ್ಯಾಂಚಿ ಬುದ್ವಂತ್ಕಾಯ್ ...ರ್ಖಂಚೊ ಮಾತ್ರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಚೊ ಉದ್ದೇಶ್ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಲೊ.

ರುಕಾರ್ ಪಿಕ್ಲ್ಲಾ ಪೊಣ್ಸೊಸ್ ಮುಳಿಂ ಪಡ್ತಿತ್ ಭಿಕ್ಲಾಂ, ಅಯ್ಯ್ಕಾನಾಕಾ ಶಿಕ್ಲಾಂ ತೊರೆತಾ ತೊಕ್ಲೆಚಿಂ.
ಲೊಬಾಂಗೆಲೊ ಚಲೊ ಗುಣಾಂಚೊ ಫೆಗೊರ್, ಶಿಕ್ಲಾಂ ಆಯ್ಕೊಂಚೊ ನ್ಹೆಂ ಘುಗೊರ್ ಆಮ್ಚೊ ಹೊರೆತ್ ಬಾಬ್.

ಗರ್ದಾನಾಚ್ಯಾ ಗೊಟ್ಯಾಂತ್ ಸೊಭಾಯ್ ದಿತಾತ್ ಗೊಪ್ಹ್, ಘುಗ್ರಿಂ ಜಾಂಪ್ತಿತ್ ಜೊಪ್ಹಿಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ತೊಕ್ಲೆರ್.
ಘರಾಚ್ಯಾ ಪಾಕ್ಯಾರ್ ಕಾವ್ಳೊ ಕರ್ತಾ ಕಾಕಾ, ಜೊಪ್ಹಿಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಏಕ್ ಮ್ಹಾಕಾ, ಏಕ್ ತುಕಾ.

ಕಾಝ್ಲಿರ್ ಘಾಲ್ಲೊ ಪೊಳೊ ಕರ್ಪೊನ್ ಕಾಳೊ ಜಾಲೊ, ವ್ಹರೆತಾನ್ ಮಾರ್ಲೊ ದೊಳೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹಕ್ಲೆರ್.
ಕೊಡ್ಯಾಳ್ತೆ ಪೆಂಟೆಂತ್ ಪಿಕುಂಕ್ ಘಾಲಾಂ ಆಂಗ್ಲೆಂ, ದೊಳೊ ಮಾರ್ಲೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ತುಮ್ಕಾಂ ಕೊಣೆ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ?

ತೊರೆತ್ ಆಮ್ಚೊ ಬಾಬ್ ಆಂಬಾಡೆ ದಾಡಾಯ್ತಾಲೊ, ಕಾಜಾರ್ ಜಾಯ್ನಾ ಮ್ಹಣೊನ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಹೆಡಾಯ್ತಾಲೊ.
ತಾಣೆಂ ಧಾಡಾಯ್ಲ್ಲೆ ಆಂಬಾಡೆ ಆಮಿಂ ದಾಡಾಂವ್ಚೆ ನ್ಹೆಂ, ವೊವ್ಯಾಸಿಂ ಚಿಡಾಂವ್ಚೆಂ ನ್ಹೆಂ. ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಕ್.

ಹಾಲೊನ್ ಧಲೊನ್ ಪಾಟ್ಯಾರ್ ದಾಂವ್ತಾ ರೈಲ್, ಘಾಬ್ ಕರ್ತಾ ಸ್ಟಾಯ್ಲ್ ತೊಕ್ಲೆ ಫೆಗ್ ತುಜಿ.
ರಾಣ್ಯೆಚ್ಯಾ ಮುಕುಟಾಕ್ ಸೊಭಾಯ್ ದಿತಾ ಥಿಕ್, ಸ್ಟೈಲ್ ಕರ್ಚೆಂ ಹಕ್ಕ್ ತೊಕ್ಲೆ ಫ್ಯಾಣಿಚೆಂ.

ಮಾಂದ್ರಿ ಸೊಡವ್ನ್ ಮಾಂದ್ರೆರ್ ದವರ್ಲೆಂ ಉಶೆಂ, ಕೊಣೆಂ ಕೆಲೆಂ ಪಿಶೆ ತೊಕ್ಲೆರ್ ಕಾಜಾರಾಚೆಂ.
ಭಾತ್ ಬಡಯ್ತಾನಾ ಉಬ್ಲಿ ಭಾತಾಚಿ ಕೂಸ್, ಪ್ರಾಯೆಚಿ ದೊಸ್ ತುಕಾ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಬಿಬಿಚ್.

ಭಿತರ್ಲ್ಯಾ ಕುಡಾಂತ್ ಮಾಜಾರ್‌ಗಿ ಘುಸ್, ಸದಾಂ ಪಿಡೆಸ್ತ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ ತುಜಿ.
ಮಾಂಯ್ ಪಿಡೆಸ್ತ್ ಮ್ಹಣ್ ನಾಕಾ ಕರುಂಕ್ ಚಿಂತಾ, ಲಾಗ್ಶಾರ್ ದಾಕ್ತೆರ್ ಆಸಾ ವಕತ್ ದೀವ್ನ್ ಬರೆಂ ಕರ್ತಾ.

ಲಿಂಬೊ ಕಾತ್ರುನ್ ಕೆಲೆಂ ಶರ್ಬತ್, ದವ್ಲತೆಚೊ ಕೊಂಬ್ಲೊ ಆಮ್ಚೊ ತೊರೆತ್.
ಆಂಬೊ ತಾಸುನ್ ಆಂಬ್ಯಾಚೊ ಕೆಲೊ ಕೊಚೊರ್, ದವ್ಲತೆಚೊ ಕೊಂಬ್ಲೊ ಮ್ಹಣೊನ್ ತುಮ್ಕಾಂ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಮೊಸೊರ್?

ಹಾಡಾಂಕ್ ಮಾರುಂಕ್ ಕೊಯ್ತೊ ಮಾಸಾಕ್ ಘಾಲುಂಕ್ ಶಿಕೊರ್, ಪಯ್ಲೆ ಜಾಂವ್ ಚೆಕೊರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ತೊಕ್ಲೆರ್.
ಮಿಲಾರ್ ಮಾರ್ಲಿ ಘಾಂಟ್, ರುಜಾಯ್ ಜಾಲಿ ಟಾಂವ್, ಚೆಕೊರ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಜಾಂವ್ ಪಿಲ್ಯಾದ್ ಜೊಡ್ತಾಂ ಹಾಂವ್.

- कुट्व्यांतली सपळी कुट्व्या भितर, व्हरेतान सयरीक केल्या घुटाभितर.

जः नवेंबरांत कुडपा जाता सषट, व्हरेतान सयरीक केल्यार तुमकां कितें नषट.

- पावस आयलो इतलोगी तितलो, उंदीर मुतलो व्होवळ्यांच्या मात्या वयर.

जः पावसच आयलो इतलोगी तितलो, उंदीर मुतलो न्हय येज्मानीन रोस लायलो.

- फुलां वोच्र्या कार्मिणा हाड एक दालें, माद्रिंक वेचें चेडूं काजार कशें जालें?

जः इसकोलाच्या भुर्ग्यांचें सोभता रंगाळ आंगलें, माद्रिंक वेचें चेडूं म्हणोन तुक कोणे सांगलें.

- आमच्या घरावयर आंदोणेची ताळी, काळ्यांतली काळी होरेता होकाल तुजी.

जः एक मूट भाताची भाजून काडली लाय, इतली काळी जाय आमच्या होरेताक.

- एकच पील म्हणोन कोंबी धलयता, तोंडाक आयिल्लें उलयता होरेत आमचो.

जः माघ मासांत सुबरह्मण्य षषठ, होरेत उलयल्यार तुका कितें नषट.

- दोनपारांच्या निसत्याक मीट तिक्के चाप्पे, कानांत केप्पें आमची होकाल बाय.

जः माद्रीं भितर माद्र आमचें सिसील बाय, होकाल केप्पें म्हणतेल्यांच्या जिबेक जांव घाय.

- सोप्यार घालीं पानां हातार धरुंक येना, एक्की वोवी नेणा व्हकले आवय तुजी.

जः व्हकलेची भयण नांव माडतीन, येज्मानिचे पाडतीन हांव वोवियो म्हणतां.

- सुनेक सोधुंक म्हणोन येज्मान तीन गांव भंवली, साडो मोलायताना तिची तकले घुंवली.

जः पल्तोडी दर्‍यो आल्तोडी नंय, सक्कड मांयांक घुंवल्ल्या बरी तिकाय घुंवली खंय.

- हांगा घाल्ली बाजू बीदर्‍यां वचोन काड, चड उणे आयल्यार बापायक सांगोन धाड.

जः घरा पाटीं गुडो गुड्या पाटीं घाट, सांगोन धाडशी जाल्यार होरेत फडीत पाट.

- तरनेंप मोडाल कोयतेन बेंडिनाका, काजार जातच मांय नंड्डांक केंडिनाका.

जः पावसा काळार भुंयचेर फुल्ल्यात फेर्गे, तशें कर्चें न्हंय भुर्गें आमची होकाल बाय.

जः आडसार नारल बारीक कांत चुरो, तितलें केल्यार पुरो आमच्या व्हकलेन.

- रेंवाळ गाद्यांत नाल्याचीं गोडां, कितलीं लागलीं पावडां मांयक वोप काडुंक?

जः रेंवाळ गाद्यांत नाल्याचीं गोडां, १३ लागलीं पावडां मांयक वोप काडुंक.

ಕುಟ್ಮಾಂತ್ಲಿ ಸರ್ಪಾಳಿ ಕುಟ್ಮಾ ಭಿತರ್. ವ್ಹರೆತಾನ್ ಸಯ್ರಿಕ್ ಕೆಲ್ಯಾ ಘುಟಾಭಿತರ್.
ನವೆಂಬ್ರಾಂತ್ ಕುಡ್ಡಾ ಜಾತಾ ಸಷ್ಟ, ವ್ಹರೆತಾನ್ ಸಯ್ರಿಕ್ ಕೆಲ್ಯಾರ್ ತುಮ್ಕಾಂ ಕಿತೆಂ ನಷ್ಟ.

ಪಾವ್ಸ್ ಆಯ್ಲೊ ಇತ್ಲೊಗೀ ತಿತ್ಲೊ. ಉಂದಿರ್ ಮುತ್ಲೊ ವ್ಹೊವ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾ ವಯ್ರ್.
ಪಾವ್ಸಾಚ್ ಆಯ್ಲೊ ಇತ್ಲೊಗಿ ತಿತ್ಲೊ. ಉಂದಿರ್ ಮುತ್ಲೊ ನ್ಹಯ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ರೋಸ್ ಲಾಯ್ಲೊ.

ಫುಲಾಂ ವ್ಹೊರ್ಚ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಿಣಾ ಹಾಡ್ ಏಕ್ ದಾಲೆಂ. ಮಾದ್ರಿಂಕ್ ವೆಚೆಂ ಚೆಡುಂ ಕಾಜಾರ್ ಕಶೆಂ ಜಾಲೆಂ?
ಜ: ಇಸ್ಕೊಲಾಚ್ಯಾ ಘುರ್ಗ್ಯಾಂಚೆಂ ಸೊಭ್ತಾ ರಂಗಾಳ್ ಅಂಗ್ಲೆಂ. ಮಾದ್ರಿಂಕ್ ವೆಚೆಂ ಚೆಡುಂ ಮ್ಹಣೊನ್ ತುಕಾ ಕೊಣೆ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ.

ಆಮ್ಸ್ಯಾ ಫರಾವಯ್ರ್ ಆಂದೊಣೆಚಿ ತಾಳಿ. ಕಾಳ್ಯಾಂತ್ಲಿ ಕಾಳಿ ಯೊರೆತಾ ಯೊಕಾಲ್ ತುಜಿ.
ಜ: ಏಕ್ ಮೊಟ್ ಭಾತಾಚಿ ಭಾಜುನ್ ಕಾಡ್ಲಿ ಲಾಯ್, ಇತ್ಲಿ ಕಾಳಿ ಜಾಯ್ ಆಮ್ಸ್ಯಾ ಯೊರೆತಾಕ್.

ಏಕ್‌ಚ್ ಪೀಲ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಕೊಂಬಿ ಧಲಯ್ತಾ, ತೊಂಡಾಕ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ಉಲಯ್ತಾ ಯೊರೆತ್ ಆಮ್ಚಿ.
ಜ: ಮಾಘ ಮಾಸಾಂತ್ ಸುಬ್ರಹ್ಮಣ್ಯ ಷಷ್ಠಿ, ಯೊರೆತ್ ಉಲಯ್ಲ್ಯಾರ್ ತುಕಾ ಕಿತೆಂ ನಷ್ಟ.

ದೊನ್ಪಾರಾಂಚ್ಯಾ ನಿಸ್ತ್ಯಾಕ್ ಮೀಟ್ ತಿಕ್ಕ ಚಾಪ್ಟೆ, ಕಾನಾಂತ್ ಕಷ್ಟೆಂ ಆಮ್ಚಿ ಯೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
ಜ: ಮಾದಿಂ ಭಿತರ್ ಮಾದ್ರ್ ಆಮ್ಚೆಂ ಸಿಸಿಲ್ ಬಾಯ್, ಯೊಕಾಲ್ ಕಷ್ಟೆಂ ಮ್ಹಣ್ತಲ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಜಿಬೆಕ್ ಜಾಂವ್ ಘಾಯ್.

- ಸೊಪ್ಯಾರ್ ಘಾಲಿಂ ಪಾನಾಂ ಹಾತಾರ್ ಧರುಂಕ್ ಯೇನಾ, ಎಕ್ಯೀ ವ್ಹೊಪಿ ನೆಣಾ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಆವಯ್ ತುಜಿ.

ಜ: ವ್ಹಕ್ಲೆಚಿ ಭಯ್ಣ್ ನಾಂವ್ ಮಾಡ್ತಿನ್, ಯೆಜ್ಮಾನಿಚೆ ಪಾಡ್ತಿನ್ ಹಾಂವ್ ವ್ಹೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾಂ.

- ಸುನೆಕ್ ಸೊಧುಂಕ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ತೀನ್ ಗಾಂವ್ ಭಂವ್ಲೊ. ಸಾಡೊ ಮೊಲಾಯ್ತಾನಾ ತಿಚಿ ತಕ್ಲೆ ಘುಂವ್ಲಿ.

ಜ: ಪಲ್ತ್ಯಾಡಿ ದರ್ಯಾ ಅಲ್ತ್ಯಾಡಿ ನಂಯ್. ಸಕ್ಡ್ ಮಾಂಯಾಂಕ್ ಘುಂವ್‌ಲ್ಯಾ ಬರಿ ತಿಕಾಯ್ ಘುಂವ್ಲಿ ಖಂಯ್.

- ಹಾಂಗಾ ಘಾಲ್ಲಿ ಬಾಜು ಜಿವ್ಯಾಂ ವಚೊನ್ ಕಾಡ್. ಚಡ್ ಉಣೆ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ಸಾಂಗೊನ್ ಧಾಡ್.

ಜ: ಘರಾ ಪಾಟಿಂ ಗುಡೊ ಗುಡ್ಯಾ ಪಾಟಿಂ ಘಾಟ್. ಸಾಂಗೋನ್ ಧಾಡ್ಯಿ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಯೊರೆತ್ ಫಡಿತ್ ಪಾಟ್.

- ತರ್ನ್ಯಾಂ ಮೊಡಾಲ್ ಕೊಯ್ತಿನ್ ಪೆಂಡಿನಾಕಾ. ಕಾಜಾರ್ ಜಾತಚ್ ಮಾಂಯ್ ನಂಡ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ಕೆಂಡಿನಾಕಾ.

ಜ: ಪಾವ್ಸಾ ಕಾಳಾರ್ ಘುಂಯ್ಡ್ಯಾರ್ ಫುಲ್ತ್ಯಾತ್ ಫಗ್ರ್. ತಶೆಂ ಕರ್ಚೆಂ ನ್ಹಂಯ್ ಘುರ್ಗೆಂ ಆಮ್ಚಿ ಯೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
ಜ: ಆಡ್ಸಾರ್ ನಾರ್ಲ್ಯ ಬಾಲಿಕ್ ಕಾಂತ್ ಚುರೊ. ತಿತ್ಲೆಂ ಕೆಲ್ಯಾರ್ ಪುರೊ ಆಮ್ಸ್ಯಾ ವ್ಹಕ್ಲೆನ್.

- ರೆಂವಾಳ್ ಗಾದ್ಯಾಂತ್ ನಾತ್ಸ್ಯಾಚೆಂ ಗೊಡಾಂ. ಕಿತ್ಲಿಂ ಲಾಗ್ಲಿಂ ಪಾವ್ಸಾಂ ಮಾಂಯ್ಕ್ ವ್ಹೋಪ್ ಕಾಡುಂಕ್?

ಜ: ರೆಂವಾಳ್ ಗಾದ್ಯಾಂತ್ ನಾತ್ಸ್ಯಾಚೆಂ ಗೊಡಾಂ. 13 ಲಾಗ್ಲಿಂ ಪಾವ್ಸಾಂ ಮಾಂಯ್ಕ್ ವ್ಹೋಪ್ ಕಾಡುಂಕ್.

- इशेड्डाचो आंबो धाडावन पिकयनाका, वेगळे राव्या म्हण व्हरेताक शिकयनाका.

ज: दुक्राच्या मासाक मारलो एक कोयतो, वेगळो रांवचो कायदो आमच्ये होकलेचो.

- भितर घाल्ली मांद्री भायर वोडिनाका, केंडून उलयनाका तुज्या मांय मांवाक.

ज: सकाळीं काडल्लें दूद सांजेर जालें धंय, केंडून उलंवची न्हंय आमची व्हकाल बाय.

- फूल भांगार माळन मातें जालें वोजें, खंयच्या गांवाक दिलेंय येज्मान्या भुर्गें तुजें.

ज: कोडियाळच्या गांवांत विकुंक घाला सांबार, तुमकां नांगी खबार वालेन्सिया दिलें म्हणून?

- मुकार येता बोणको पाटल्यान येता कोंकणो, उत्रा फुडें देंकणो होकले मांवाक तुज्या.

ज: धेंकणों घालो देकून धरिनाका मनांत, घालिनाका कानांत व्हकले व्हरेताच्या.

- लागशिली नणंद येत जाल्यार मिटामिर्सांगेन वाड, पयशिल्या नंडेक शेवटे रांदून वाड.

ज: पयशिल्या नंडेक शेवटे रांदून वाड, तेवी पावानातल्यार व्हरेताक पागुंक धाड.

- हातांतलो तुवालो वाटेर गळयनाका, भचरां आयल्यार वांकडें पळेयनाका.

ज: पानां खुंटून पानांचीं केलीं येणां, वांकडें पळेवंक नेणा आमची होकाल बाय.

- आवाळ्याच्या रुका मुळांत रोंपी कुवाळ्याची, देराच्या काजाराक बावोज दुवाळ्यांची.

ज: हाता वयलें मोंव बोटांनी गळ्ळें, तुका कशें कळ्ळें दुवाळ्यांची म्हण.

- घर्चो पेटो पर्की येताना कर्ता बौ, सुमार वरसांवचो लव आमच्या होकलेचो.

ज: शिंवकाराच्या आंगडी शिंवोंक घालां आंगलें, तुका कोणें सांगलें बारी आदलो लव म्हण.

- पानां कोवोळन पानांची केलीं येणां, ती लव कर्ताना हांव पळेवन जाणा.

ज: सकाळीं काडलें दूद सांजेर जालें धंय, तुवें केल्ले बरीच ताणिंय केल्लें खंय.

ಇಶೆಡ್ಡಾಚೊ ಆಂಬೊ ಧಾಡಾವ್ನ್ ಪಿಕಯ್ನಾಕಾ, ವೆಗ್ಗೆ ರಾವ್ಯಾ ಮ್ಹಣ್ ವ್ಹರೆತಾಕ್ ಶಿಕಯ್ನಾಕಾ.

ಜ: ದುಕ್ತಾಚ್ಯಾ ಮಾಸಾಕ್ ಮಾರ್ಲೊ ಏಕ್ ಕೊಯ್ತೊ, ವೆಗ್ಗೊ ರಾಂವ್ಚೊ ಕಾಯ್ದೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಚೊ.

• ಭಿತರ್ ಘಾಲ್ಲಿ ಮಾಂದ್ರಿ ಭಾಯ್ರ್ ವೊಡಿನಾಕಾ, ಕೆಂಡುನ್ ಉಲಯ್ನಾಕಾ ತುಜ್ಯಾ ಮಾಂಯ್ ಮಾಂವಾಕ್.

ಜ: ಸಕಾಳಿಂ ಕಾಡ್ಲ್ಲೆಂ ದೂದ್ ಸಾಂಜೆರ್ ಜಾಲೆಂ ಧಂಯ್, ಕೆಂಡುನ್ ಉಲಂವ್ಚಿ ನ್ಹಂಯ್ ಆಮ್ಚಿ ವ್ಹಕಾಲ್ ಬಾಯ್.

• ಫುಲ್ ಭಾಂಗಾರ್ ಮಾಳ್ನ್ ಮಾತೆಂ ಜಾಲೆಂ ವೊಜೆಂ, ಖಂಯ್ಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಕ್ ದಿಲೆಂಯ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾ ಭುರ್ಗೆಂ ತುಜೆಂ.

ಜ: ಕೊಡಿಯಾಳ್ಚ್ಯಾ ಗಾಂವಾಂತ್ ವಿಕುಂಕ್ ಘಾಲಾ ಸಾಂಬಾರ್, ತುಮ್ಕಾಂ ನಾಂಗೀ ಖಬಾರ್ ವಾಲೆನ್ಸಿಯಾ ದಿಲೆಂ ಮ್ಹಣುನ್?

• ಮುಕಾರ್ ಯೆತಾ ಬೊಣ್ಕೊ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಯೆತಾ ಕೊಂಕ್ಲೊ, ಉತ್ರಾ ಫುಡೆಂ ದೆಂಕ್ಲೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂವಾಕ್ ತುಜ್ಯಾ.

ಜ: ಧೆಂಕ್ಲೊಂ ಘಾಲೊ ದೆಕುನ್ ಧರಿನಾಕಾ ಮನಾಂತ್, ಘಾಲಿನಾಕಾ ಕಾನಾಂತ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ವ್ಹರೆತಾಚ್ಯಾ.

• ಲಾಗ್ಗಿಲಿ ನಣಂದ್ ಯೇತ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಮಿಟಾಮಿಸ್ರಾಂಗೆನ್ ವಾಡ್, ಪಯ್ಸಿಲ್ಯಾ ನಂಡೆಕ್ ಶೆವ್ಪೆ ರಾಂದುನ್ ವಾಡ್.

ಜ: ಪಯ್ಸಿಲ್ಯಾ ನಂಡೆಕ್ ಶೆವ್ಪೆ ರಾಂದುನ್ ವಾಡ್, ತೆಪೀ ಪಾವಾನಾತ್ಲ್ಯಾರ್ ವ್ಹರೆತಾಕ್ ಪಾಗುಂಕ್ ಧಾಡ್.

• ಹಾತಾಂತ್ಲೊ ತುವಾಲೊ ವಾಟೆರ್ ಗಳಯ್ನಾಕಾ, ಭಚ್ಚಾಂ ಆಯ್ಲ್ಯಾರ್ ವಾಂಕ್ಡೆಂ ಪಳೆಯ್ನಾಕಾ.

ಜ: ಪಾನಾಂ ಖುಂಟುನ್ ಪಾನಾಂಚೆಂ ಕೆಲಿಂ ಯೆಣಾಂ, ವಾಂಕ್ಡೆಂ ಪಳೆಂವ್ಕ ನೆಣಾ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.

• ಆವಾಳ್ಯಾಚ್ಯಾ ರುಕಾ ಮುಳಾಂತ್ ರೊಂಪಿ ಕುವಾಳ್ಯಾಚಿ, ದೆರಾಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಕ್ ಬಾವ್ಜ್ ದುವಾಳ್ಯಾಂಚಿ.

ಜ: ಹಾತಾ ವಯ್ಲೆಂ ಮೊಂವ್ ಬೊಟಾಂನಿ ಗಳ್ಳೆಂ, ತುಕಾ ಕಶೆಂ ಕಳ್ಳೆಂ ದುವಾಳ್ಯಾಂಚಿ ಮ್ಹಣ್.

• ಘರ್ಚೊ ಪೆಟೊ ಪರ್ಕಿ ಯೆತಾನಾ ಕರ್ತಾ ಜೌ, ಸುಮಾರ್ ವರ್ಸಾಂಚೊ ಲವ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಚೊ.

ಜ: ಶಿಂವ್ಯಾರಾಚ್ಯಾ ಆಂಗ್ಣಿ ಶಿಂವೊಂಕ್ ಘಾಲಾಂ ಆಂಗ್ಲೆಂ, ತುಕಾ ಕೊಣೆಂ ಸಾಂಗ್ಲೆಂ ಬಾರೀ ಆದ್ಲೊ ಲವ್ ಮ್ಹಣ್.

• ಪಾನಾಂ ಕೊವೊಳ್ನ್ ಪಾನಾಂಚಿ ಕೆಲಿಂ ಯೆಣಾಂ, ತಿ ಲವ್ ಕರ್ತಾನಾ ಹಾಂವ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಜಾಣಾ.

ಜ: ಸಕಾಳಿಂ ಕಾಡ್ಲೆಂ ದೂದ್ ಸಾಂಜೆರ್ ಜಾಲೆಂ ಧಂಯ್, ತುವೆಂ ಕೆಲ್ಲೆ ಬರಿಚ್ ತಾಣೆಂಯ್ ಕೆಲ್ಲೆಂ ಖಂಯ್.

अध्याय ९. जमयिल्ल्यो नव्यो वोवियो

एदोळ लाभल्ल्या पुसतकांनी छापल्ल्यो वोवियो वरवन पळेवन, मालघड्यांक भेटोन छापिनातल्ल्यो वोवियो ओट्टूक कर्चें प्रयतन हांगासर केलां. आशें ५० नव्यो वोवियो जमो केल्यात.

शरो: ह्यो वोवियो नव्योच म्हणोन सांगोंक जायना. थोड्या वोवियांनी आदल्या वोवियांचे सब्द तशेंच आतांच्या काळाक सरी जाल्ले सब्द आनी सन्निवेशां मिसळोन आसात.

१) सिर्वीस करय होरेता घरा होकलेक राकैनाका, सकाळीं सांजेर तिचे संगीं मागणें चुकैनाका.
२) वारयासर सोडले केस, केसांक माळ्ळीं फुलां, व्हिसकी दितां म्हणोन येज्मान्यान उतार दिलां.
३) मांड्यांतलें उदाक थंड थंड पियें, शहब्बास म्हणोन जियें व्हकले कोर्देलांत.
४) व्हरेता बाबा गळ्यांत तुज्या सरी, तुवें घाली गरी आज रुजू जाली.
५) व्हरेत बाबान तासल्या आपली मिशी, सून मेळ्ळ्या म्हण येज्मान जाल्या खुशी.
६) व्हकाल आमची बाय खाताली कंरबलां, सोडतालीं बंडलां काजार जायना म्हण.
७) व्हकाल आमची पळेवंक दिसता भोळी, तिणें गिळ्ळ्या गुळी जिर्गी मिर्सांगेची.
८) वोवियो म्हळ्ळीं वोवळीं व्हकलेक न्हाणवंक व्हरा, हेरां जेवणाक बसा, रात मध्यान जाता.
९) वोवळ्यांच्या आंगार रंग रंग साडियो, चंद चंद देडियो आमच्या होकलेक.
१०) आयिल्ल्या सयऱ्यांक पाटीं धाडिनाका, फ्लायटाचे पयशे दिल्या शिवाय धाडिनाका.
११) आंबो खावन आंब्याची उडयली पार, फाल्यां येता कार व्हकले रेस्पेराक.
१२) आमच्या माडार आसा पिसोंद्री, व्हकाल मेळ्ळी चिचोंद्री आमच्या व्हरेताक.
१३) रोश्याच्या माटवांत कट्टी, मोडलां, पिडे, पिट्टी पिट्टी दोग देडे आमच्या होरेताक.
१४) हाता पांयांक लायल्या तांबडी मेंदी, व्हरेताक मेळ्ळी होकाल आमची चंदी.
१५) होरेताच्या तोंडार फ्रेंच खाड मिशी, अवणूं आयली खुशी ताका काजाराची.
१६) कानार खेळता मनाचें मोबैल, गुणांची मेळता बायल आमचा होरेताक.
१७) बोळूरचे न्हंयत वर्साक एक पावटीं तेर, शिरांचो दाक्तेर होकले तुजो देर.
१८) दनपारांच्या जेवणाक शीत, सार, ताक, कमिषन विचार्न काजाराचें लेक होकले बरवन दवर.
१९) देडियांच्या मात्यार एक्की नां पिंत, कोल्गेटाचे दांत आमच्या होकलेचे.
२०) सकलेशपूर येताना मेळता शिराडी घटी, नांवच्यांत भारी पाटीं अमचो वरेत बाब.
२१) अकाशी मोड म्हण धर्णीक जाल्या शेळ, पिरेरी केल्या चल्या तुका कानीं तेल.
२२) घरा मुखल्या रुकार रोसाळ पोणस पिकलो, कषटी जिण्येन जिकलो आमचो होरेत बाब.
२३) येज्मानिच्या हितलांत झडार पिकलां आणस, शेगुणांचें कणस आमची होकल बाय.
२४) रोस जालो, फुगेच्यो फुटया, बेंडा व्हाजपान उटया आमच्या होरेताक.
२५) भाताचा राशी कोंबियेन दवरलां तांतीं, विंचून काडलां मोतीं आमचा व्हरेतान.
२६) धर्णीक मारली खोट, वोणतीक आयली फूट, घरांतलो घूट होकले भायर घालिनाका.

ಅಧ್ಯಾಯ್ 9. ಜಮಯಿಲ್ಲ್ಯೊ ನವ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ

ಎದೊಳ್ ಲಾಭ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಪುಸ್ತಕಾಂನಿ ಛಾಪ್‌ಲ್ಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ವರವ್ನ್, ಪಳೆವ್ನ್, ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಕ್ ಭೆಟೊನ್ ಛಾಪಿನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಏಕ್ಟಾಯ್ ಕರ್ಚೆಂ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಸಾಂಗಾಸರ್ ಕೆಲಾಂ. ಅಶೆಂ 50 ನವ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಜಮೊ ಕೆಲ್ಯಾತ್.

ನರೊ: ಹ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ನವ್ಯೊಚ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಸಾಂಗೊಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾ. ಥೊಡ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂನಿ ಆದ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂಚೆ ಸಬ್ದ್ ತಶೆಂಚ್ ಆತಾಂಚ್ಯಾ ಕಾಳಾಕ್ ಸರಿ ಜಾಲ್ಲೆ ಸಬ್ದ್ ಆನಿ ಸನ್ನಿವೇಶಾಂ ಮಿಸ್ಳೊನ್ ಆಸಾತ್.

1) ಸಿರ್ವಿಸ್ ಕರಯ್ ಹೊರೆತಾ ಘರಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ರಾಕೈನಾಕಾ, ಸಕಾಳಿಂ ಸಾಂಜೆರ್ ತಿಚೆ ಸಂಗಿಂ ಮಾಗ್ಣೆಂ ಚುಕೈನಾಕಾ.
2) ವಾರ್‍ಯಾರ್ ಸೊಡ್ಲೆ ಕೆಸ್, ಕೆಸಾಂಕ್ ಮಾಳ್ಳಿಂ ಫುಲಾಂ, ವ್ಹಿಸ್ಕಿ ದಿತಾಂ ಮ್ಹಣೊನ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾನ್ ಉತಾರ್ ದಿಲಾಂ.
3) ಮಾಂಡ್ಯಾಂತ್ಲೆಂ ಉದಾಕ್ ಥಂಡ್ ಥಂಡ್ ಪಿಯೆ, ಶಹಬ್ಬಾಸ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಜಿಯೆ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಕೊರ್ಡೆಲಾಂತ್.
4) ವ್ಹರೆತಾ ಬಾಬಾ ಗಳ್ಯಾಂತ್ ತುಜ್ಯಾ ಸರಿ, ತುವೆಂ ಘಾಲಿ ಗರಿ ಆಜ್ ರುಜು ಜಾಲಿ.
5) ವ್ಹರೆತ್ ಬಾಬಾನ್ ತಾಸ್ಲ್ಲ್ಯಾ ಆಪ್ಲಿ ಮಿಶಿ, ಸುನ್ ಮೆಳ್ಳ್ಯಾ ಮ್ಹಣ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಖುಶಿ.
6) ವ್ಹಕಾಲ್ ಆಮ್ಚಿ ಬಾಯ್ ಖಾತಾಲಿ ಕಂಬ್ಲಾಲಾಂ, ಸೊಡ್ತಾಲಿಂ ಬಂಡಲಾಂ ಕಾಜಾರ್ ಜಾಯ್ನಾ ಮ್ಹಣ್.
7) ವ್ಹಕಾಲ್ ಆಮ್ಚಿ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ದಿಸ್ತಾ ಭೊಳಿ, ತಿಣೆಂ ಗಿಳ್ಳ್ಯಾ ಗುಳಿ ಜೆರ್ಗಿ ಮಿಸ್ರಾಂಗೆಚಿ.
8) ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಳ್ಳಿಂ ವೊವ್ಳಿಂ ವ್ಹಕ್ಲೆಕ್ ನ್ಹಾಣಂವ್ಕ್ ವ್ಹರಾ, ಹೆರಾಂ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ಬಸಾ, ರಾತ್ ಮಧ್ಯಾನ್ ಜಾತಾ.
9) ವೊವ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಆಂಗಾರ್ ರಂಗ್ ರಂಗ್ ಸಾಡಿಯೊ, ಚಂದ್ ಚಂದ್ ದೆಡಿಯೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.
10) ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್ ಪಾಟಿಂ ಧಾಡಿನಾಕಾ, ಫ್ಲಾಯ್ಟಾಚೆ ಪಯ್ಶೆ ದಿಲ್ಯಾ ಶಿವಾಯ್ ಧಾಡಿನಾಕಾ.
11) ಆಂಬೊ ಖಾವ್ನ್ ಆಂಬ್ಯಾಚಿ ಉಡಯ್ಲಿ ಪಾರ್, ಫಾಲ್ಯಾಂ ಯೆತಾ ಕಾರ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್.
12) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಡಾರ್ ಆಸಾ ಪಿಸೊಂದ್ರಿ, ವ್ಹಕಾಲ್ ಮೆಳ್ಳಿ ಚಿಚೊಂದ್ರಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾಕ್.
13) ರೊಶ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಕಟ್ಟೆ, ಮೊಡ್ಲಾಂ, ಪಿಡೆ, ಪಿಟ್ಟೆ ಪಿಟ್ಟೆ ದೋಗ್ ದೆಡೆ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಕ್.
14) ಹಾತಾ ಪಾಂಯಾಂಕ್ ಲಾಯ್ಲ್ಯಾ ತಾಂಬ್ಡಿ ಮೆಂದಿ, ವ್ಹರೆತಾಕ್ ಮೆಳ್ಳಿ ಹೊಕಾಲ್ ಆಮ್ಚಿ ಚಂದಿ.
15) ಹೊರೆತಾಚ್ಯಾ ತೊಂಡಾರ್ ಫ್ರೆಂಚ್ ಖಾಡ್ ಮಿಶಿ, ಅವ್ಸ್ಯಾಂ ಆಯ್ಲಿ ಖುಶಿ ತಾಕಾ ಕಾಜಾರಾಚಿ.
16) ಕಾನಾರ್ ಖೆಳ್ತಾ ಮನಾಚೆಂ ಮೊಬೈಲ್, ಗುಣಾಂಚಿ ಮೆಳ್ತಾ ಬಾಯ್ಲ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಕ್.
17) ಬೊಳುರ್ಶೆ ನ್ಹಂಯ್ತ್ ವರ್ಸಾಕ್ ಏಕ್ ಪಾವ್ಟಿಂ ತೇರ್, ಶಿರಾಂಚೊ ದಾಕ್ತೆರ್ ಹೊಕ್ಲೆ ತುಜೊ ದೇರ್.
18) ದನ್ಪಾರಾಂಚ್ಯಾ ಜೆವ್ಣಾಕ್ ಶಿತ್, ಸಾರ್, ತಾಕ್, ಕಮಿಷನ್ ವಿಚಾರ್ನ್ಯ ಕಾಜಾರಾಚೆಂ ಲೇಕ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಬರವ್ನ್ ದವರ್.
19) ದೆಡಿಯಾಂಚ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಎಕ್ಕಿ ನಾಂ ಪಿಂತ್, ಕೊಲ್ಗೆಟಾಚಿ ದಾಂತ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಚೆ.
20) ಸಕಲೇಶ್‌ಪುರ್ ಯೆತಾನಾ ಮೆಳ್ತಾ ಶಿರಾಡಿ ಘಟಿ, ನಾಂವ್ಯಾಂತ್ ಭಾರೀ ಪಾಟಿಂ ಅಮ್ಚೊ ವರೆತ್ ಬಾಬ್.
21) ಅಕಾಶಿ ಮೊಡ್ ಮ್ಹಣ್ ಧರ್ಣಿಕ್ ಜಾಲ್ಯಾ ಶೆಳ್, ಪಿರೇರಿ ಕೆಲ್ಯಾ ಚಲ್ಯಾ ತುಕಾ ಕಾಸಿಂ ತೆಲ್.
22) ಘರಾ ಮುಖ್ಲ್ಯಾ ರುಕಾರ್ ರೊಸಾಳ್ ಪೊಣಸ್ ಪಿಕ್ಲೊ, ಕಷ್ಟೆ ಜಿಣ್ಯೆನ್ ಜಿಕ್ಲೊ ಆಮ್ಚೊ ಹೊರೆತ್ ಬಾಬ್.
23) ಯೆಜ್ಮಾನಿಚ್ಯಾ ಶಿತ್ಲಾಂತ್ ಝುಡಾರ್ ಪಿಕ್ಲಾಂ ಅಣಸ್, ಶೆಗುಣಾಂಚೆಂ ಕಣಸ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಲ್ ಬಾಯ್.
24) ರೋಸ್ ಜಾಲೊ, ಘುಗೆಚ್ಯೊ ಘುಟಯಾ, ಜೆಂಡಾ ವ್ಹಾಜ್ಯಾನ್ ಉಟಯಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಕ್.
25) ಭಾತಾಚಾ ರಾಶಿ ಕೊಂಬಿಯೆನ್ ದವರ್ಲ್ಯಾಂ ತಾಂತಿಂ, ವಿಂಚುನ್ ಕಾಡ್ಲಾಂ ಮೊತಿಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹರೆತಾನ್.
26) ಧರ್ಣಿಕ್ ಮಾರ್ಲಿ ಖೊಟ್, ವೊಣ್ತಿಕ್ ಆಯ್ಲಿ ಘುಟ್, ಘರಾಂತ್ಲೊ ಘುಟ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಭಾಯ್ರ್ ಘಾಲಿನಾಕಾ.

२७) रेस्पेरा उपरांत होकलेक घाल झेलो, मोगाच्या बापायक देवान अपवन वेलो.
२८) रुकार पणस पिकला, ताचेर भोंवता चानी, रुपान दिसता राणी, होकल बाय आमची.
२९) दाकां खुंटून दाकांचो केलो वायन, चेड्वांक मारतापलें लायन आमची होकाल बाय.
३०) गोंयां वेच्ये वाटेर, आडवीं तिडवीं दुर्गा, वाटे वयलीं विघ्नां निवार गा सायबा.
३१) घर्चो येज्मानी नेसला मुंडू, जिवान दिसता गुंडू आमची होकाल बाय.
३२) तींत तिंतेरांत, पोली गोवेतांत, होकाल वेता म्हणा माद्री कोवेतांत.
३३) आंगल्याची सोभाय शिंवकारान शिंवच्यांत, भोगसाणे दिंवचांत सदां जा मुखार.
३४) आंब्याच्या फांटिये व्हड वाडला आंबो, उज्वाडाचो खांबो होरेता बापय तुजो.
३५) रांद्वये भितर रांद्वय उडपिचें गूळ, वक्ताचें मूळ होकले मांय तुजी.
३६) साक्रीन रंगयलीं फुलां केकिचीं, बरया, देकिचीं जा होकले शेजारयांक.
३७) उदकाच्या लारांनी भरोन गेला दऱ्यो, मोळबा वयलो सूऱ्यो व्हकले बापय तुजो.
३८) उदकाच्या पैपाक जालो एक रंध्र, मोळबा वयलो चंद्र व्हकले आवय तुजी.
३९) लोबांगेल्या माडार गुंडू गुंडू बोंडो, गुंडू गुंडू देडे आमच्या होरेताक.
४०) जालांत सुकात घाल्यात बोडियो, कुशीन बसल्यात गुंडू गुंडू रेडियो होकले धेडियो तुज्यो.
४१) बोंबयचें बस्स येवन रावलें खंडाला, थोडे पावटीं सोडता बंडलां होकले बापय तुजो.
४२) आमच्या घरा मुकार तण चरलां धट्ट, गलफाच्या पयश्यांनी घट्ट होकले बापय तुजो.
४३) आंबो खावन आंब्याची उडयली पार, कोड्याळचें स्टार आमची होकाल बाय.
४४) आमच्या गोव्यांत गाब आसात गायो, बारा जांवदीत बायो आमच्या होकलेक.
४५) होकाल बाये वदन तुजें सोभीत, दिसता माधुरी दीक्षीत होकले आवय तुजी.
४६) गांवचो गांवकार भुंयचो भुंयकार, पोट इल्लें मुकार आमच्या होरेताचें.
४७) रोसाचे माटवीं शिरोतिगी पान, दिसता शारूख खान होकले भाव तुजो.
४८) वीरप्पनाक पोलिसांनी घालो गुळो, जांवंय म्हेळ्ळो म्हण येज्मानी जालो शेंबोर किलो.
४९) मैसूरांतलो राय टिप्पू सुल्तान, जिवान कुसती पैलवान होकले भाव तुजो.

27) ರೆಸ್ಪೆರಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಘಾಲ್ ಝುಲೊ, ಮೊಗಾಚ್ಯಾ ಬಾಪಾಯ್ಕ್ ದೆವಾನ್ ಅಪವ್ನ್ ವೆಲೊ.
28) ರುಕಾರ್ ಪಣಸ್ ಪಿಕ್ಲಾ, ತಾಚೆರ್ ಭೊಂವ್ತಾ ಚಾನಿ, ರುಪಾನ್ ದಿಸ್ತಾ ರಾಣಿ, ಹೊಕಲ್ ಬಾಯ್ ಆಮ್ಚಿ.
29) ದಾಕಾಂ ಖುಂಟುನ್ ದಾಕಾಂಚೊ ಕೆಲೊ ವಾಯ್ನ್, ಚೆಡ್ಯಾಂಕ್ ಮಾರ್ತಾಲೆಂ ಲಾಯ್ನ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
30) ಗೊಂಯಾಂ ವೆಚ್ಯೆ ವಾಟೆರ್, ಆಡ್ವಿಂ ತಿಡ್ವಿಂ ದುರ್ಗಾ, ವಾಟೆ ವಯ್ಲಿಂ ವಿಘ್ನಾಂ ನಿವಾರ್ ಗಾ ಸಾಯ್ಬಾ.
31) ಘರ್ಚೊ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ನೆಸ್ಲಾ ಮುಂಡು, ಜಿವಾನ್ ದಿಸ್ತಾ ಗುಂಡು ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
32) ತೀಂತ್ ತಿಂತೆರಾಂತ್, ಪೊಲಿ ಗೊವೆತಾಂತ್, ಹೊಕಾಲ್ ವೆತಾ ಮ್ಹಣಾ ಮಾದ್ರಿ ಕೊವೆತಾಂತ್.
33) ಆಂಗ್ಣ್ಯಾಚಿ ಸೊಭಾಯ್ ಶಿಂವ್ಕಾರಾನ್ ಶಿಂವ್ಚ್ಯಾಂತ್, ಭೊಗ್ಸಾಣೆ ದಿಂವ್ಚಾಂತ್ ಸದಾಂ ಜಾ ಮುಖಾರ್.
34) ಆಂಬ್ಯಾಚ್ಯಾ ಫಾಂಟಿಯೆ ವ್ಹಡ್ ವಾಡ್ಲಾ ಆಂಬೊ, ಉಜ್ವಾಡಾಚೊ ಖಾಂಬೊ ಹೊರೆತಾ ಬಾಪಯ್ ತುಜೊ.
35) ರಾಂದ್ವಯೆ ಭಿತರ್ ರಾಂದ್ವಯ್ ಉಡ್ವಿಚೆಂ ಗುಳ್, ವಕ್ತಾಚೆಂ ಮೂಳ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಮಾಂಯ್ ತುಜಿ.
36) ಸಾಕ್ರೆನ್ ರಂಗಯ್ಲಿಂ ಪುಲಾಂ ಕೇಕಿಚಿಂ, ಬರ್ಯ್ಯಾ ದೆಕಿಚಿಂ ಜಾ ಹೊಕ್ಲೆ ಶೆಜಾರ್ಯಾಂಕ್.
37) ಉದ್ಕಾಚ್ಯಾ ಲಾರಾಂನಿ ಭರೊನ್ ಗೆಲಾ ದರ್ಯೊ, ಮೊಳ್ಬಾ ವಯ್ಲೊ ಸುರ್ಯೊ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಬಾಪಯ್ ತುಜೊ.
38) ಉದ್ಕಾಚ್ಯಾ ಪೈಪಾಕ್ ಜಾಲೊ ಏಕ್ ರಂಧ್ರ್, ಮೊಳ್ಬಾ ವಯ್ಲೊ ಚಂದ್ರ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ಆವಯ್ ತುಜಿ.
39) ಲೊಬಾಂಗೆಲ್ಯಾ ಮಾಡಾರ್ ಗುಂಡು ಗುಂಡು ಬೊಂಡೊ, ಗುಂಡು ಗುಂಡು ದೆಡೆ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಕ್.
40) ಜಾಲಾಂತ್ ಸುಕಾತ್ ಘಾಲ್ಯಾತ್ ಬೊಡಿಯೊ, ಕುಶಿನ್ ಬಸ್ಲ್ಯಾತ್ ಗುಂಡು ಗುಂಡು ರೆಡಿಯೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಧೆಡಿಯೊ ತುಜ್ಯೊ.
41) ಬೊಂಬಯ್ಚಿಂ ಬಸ್ಸ್ ಯೇವ್ನ್ ರಾವ್ಲೆಂ ಖಂಡಾಲಾ, ಥೊಡೆ ಪಾವ್ಚಿಂ ಸೊಡ್ತಾ ಬಂಡಲಾಂ ಹೊಕ್ಲೆ ಬಾಪಯ್ ತುಜೊ.
42) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘರಾ ಮುಕಾರ್ ತಣ್ ಚರ್ಲಾಂ ಧಟ್ಟ್, ಗಲ್ಫಾಚ್ಯಾ ಪಯ್ಶ್ಯಾಂನಿ ಘಟ್ಟ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಬಾಪಯ್ ತುಜೊ.
43) ಆಂಬೊ ಖಾವ್ನ್ ಆಂಬ್ಯಾಚಿ ಉಡಯ್ಲಿ ಪಾರ್, ಕೊಡ್ಯಾಳ್ಚಿಂ ಸ್ಟಾರ್ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.
44) ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಗೊಟ್ಯಾಂತ್ ಗಾಬ್ ಆಸಾತ್ ಗಾಯೊ, ಬಾರಾ ಜಾಂವ್ಧಿತ್ ಬಾಯೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಕ್.
45) ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯೆ ವದನ್ ತುಜೆಂ ಸೊಭಿತ್, ದಿಸ್ತಾ ಮಾಧುರಿ ದೀಕ್ಷಿತ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಆವಯ್ ತುಜಿ.
46) ಗಾಂವ್ಚ್ಯೊ ಗಾಂವ್ಕಾರ್ ಭುಂಯ್ಚ್ಯೊ ಭುಂಯ್ಕಾರ್, ಪೊಟ್ ಇಲ್ಲೆಂ ಮುಕಾರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊರೆತಾಚೆಂ.
47) ರೊಸಾಚೆ ಮಾಟ್ವೆಂ ಶಿರೊತಿಗೀ ಪಾನ್, ದಿಸ್ತಾ ಶಾರೂಖ್ ಖಾನ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಭಾವ್ ತುಜೊ.
48) ವೀರಪ್ಪನಾಕ್ ಪೊಲಿಸಾಂನಿ ಘಾಲೊ ಗುಳೊ, ಜಾಂವಂಯ್ ಮ್ಹೆಳ್ಳೊ ಮ್ಹಣ್ ಯೆಜ್ಮಾನಿ ಜಾಲೊ ಶೆಂಬೊರ್ ಕಿಲೊ.
49) ಮೈಸೂರಾಂತ್ಲೊ ರಾಯ್ ಟಿಪ್ಪು ಸುಲ್ತಾನ್, ಜಿವಾನ್ ಕುಸ್ತಿ ಪೈಲ್ವಾನ್ ಹೊಕ್ಲೆ ಭಾವ್ ತುಜೊ.

अद्याय १०. वोवियां संसकृतिविशीं जाणत्या आनी मालघड्यांचो अभिपराय

१०.१ मो. डेनीस मोरास प्रभू (७९ वर्सां प्राय)

मंगळूर दियेसेजिचो अदलो विगार जेराल मो. डेनी मोरास प्रभू वोवियां विश्यांत हो अभिपराय दिता. वोवि वेर्साक आमचे केनरा क्रिसतांव समाजेंत एक विशिष स्थान दिलां. आमचे पुर्वज १६ व्या शतमानांत गोंय सोड कोड्याळाक येताना गोंयचे संपरदाय, पदां आनी लोकवे सांगाता घेवन आयले आनी आजून हो संपरदाय मंगळुरां जिवो आसा.

रोसावेळा, रेस्पेराक भायर सर्ताना, साडो न्हेसयताना ओप्सून दिताना होकले नवऱ्याक बूदबाळ सांगुंक आनी बरें मागोंक वोवियो एव वाट जावनासल्ली.आदल्यो वोवियो आयकाताना आमच्या मालघड्यांनी विंचल्लीं इतलं नाजूक, आर्थाभरीत उत्रां आयकातेल्यांची भूक थांबयतात. वोवियो म्हणतेल्यांचे ताळे नाजूक आसोन काऱ्याक एक विशेस कळा आसताली.

आदल्या काळाचो तो भर्म आनी नाजुकाय आयच्या काळाच्या वोवियांनं सांबाळच्याक कितें कऱ्येत म्हळ्ळ्या सवालाक मोन्सिंजोर म्हणता 'एकल्यान एक वोवी म्हळी म्हणोन अनेकल्यान खंच्याय एक भाशेचो सब्द काडन, ताका ताळ पडाना जाल्यारयी म्हणतात. असल्यो वोवियो आयकोंक बरयोह लागानांत आनी कसलेंय आकरषण भोगाना. आसली वाडावळ आमच्या पारंपरीक संपरदायाक व्यतिरिक्त जावनासा. आदल्यो वोवियो लोकाच्या तोंडांत आसात, त्यो वोवियो तेच ताळे पूण संदर्भातेकीद नवे सब्द घालन रचल्यार वोवियो गावंक आकरषण येत'.

१०.२ बाप प्रताप नायक जे.स. (६८ वर्सां प्राय)

बाप प्रताप नायक जे.स. गोंयचो, कोंकणेचो एक मालघडो साहिती. हांच्या पर्माणें हिंदू समाजेंत तांच्या सामाजीक तशें धार्मीक काऱ्यांनी वोवियो आरंभ जाल्ल्यो. त्या वोवियांनी हिंदू देव देवतांचो उल्लेक येता आनी नवऱ्याक तशेंच होकलेक जाय ती बूदबाळ, जाणवाय, माहेत मेळता. ह्या वर्वीं तांणीं कसो आपलो फुडार चलवंक जाय आनी कशें आपलें कुटाम सांबाळुंक जाय म्हळ्ळेविशीं माहेत मेळता.

काजाराच्या वोवियांचे मूळ गोंय. गोंयांत पुडतुगेजांच्या काळार कन्वेडतर जाल्ले क्रिसतांव तांच्या काजारा सोबाणांनी त्योच वोवियो वापार करुंक लागले. तांतू गणपती

್ದ್ಯಾಯ್ 10. ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿವಿಶಿಂ ಜಾಣ್ತ್ಯಾ ಆನಿ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಚೊ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್

.1 ಮೊ. ಡೆನಿಸ್ ಮೊರಾಸ್ ಪ್ರಭು (79 ವರ್ಸಾಂ ಪ್ರಾಯ್)

ಮಂಗ್ಳುರ್ ದಿಯೆಸೆಜಿಚೊ ಅದ್ಲೊ ವಿಗಾರ್ ಜೆರಾಲ್ ೂ. ಡೆನಿಸ್ ಮೊರಾಸ್ ಪ್ರಭು ವೊವಿಯಾಂ ವಿಶ್ಾಂತ್ ಹೊ ಭಿಪ್ರಾಯ್ ದಿತಾ. ವೊವಿಯಾಂ ವೆರ್ಸಾಕ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೆನರಾ ಶ್ಾಂವ್ ಸಮಾಜೆಂತ್ ಏಕ್ ವಿಶಿಷ್ಟ್ ಸ್ಥಾನ್ ದಿಲಾಂ. ಆಮ್ಚ್ಯಾ ್ರ್ವಜ್ 16 ವ್ಯಾ ಶತಮಾನಾಂತ್ ಗೊಂಯ್ ಸೊಡ್ನ್ ಡ್ಯಾಳಾಕ್ ಯೆತಾನಾ ಗೊಂಯ್ಚೊ ಸಂಪ್ರದಾಯ್. ಪದಾಂ ಿ ಲೊಕ್‌ವೆದ್ ಸಾಂಗಾತಾ ಘೆವ್ನ್ ಆಯ್ಲೆ ಆನಿ ಆಜೂನ್ ೊ ಸಂಪ್ರದಾಯ್ ಮಂಗ್ಳುರಾಂತ್ ಜಿವೊ ಆಸಾ.

ರೊಸಾವೆಳಾ, ರೆಸ್ಪೆರಾಕ್ ಭಾಯ್ರ್ ಸರ್ತಾನಾ, ಸಾಡೊ ನೆಸಯ್ತಾನಾ, ಒಪ್ಸುನ್ ದಿತಾನಾ ೊರ್ಕೆ ನವ್ರ್ಯಾಕ್ ಬೂದ್‌ಬಾಳ್ ಸಾಂಗುಂಕ್ ಆನಿ ಬರೆಂ ಮಾಗೊಂಕ್ ವೊವಿಯೊ ಏಕ್ ವಾಟ್ ಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಯಾ. ಆದ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ ಆಯ್ಕತಾನಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂನಿ ವಿಂಚ್ಲ್ಲಿಂ ಇತ್ಲಿಂ ಾಜೂಕ್, ಅರ್ಥಾಭರಿತ್ ಉತ್ರಾಂ ಆಯ್ಕಾತೆಲ್ಯಾಂಚಿ ಘುರ್ ಘಾಂಪಯ್ತಾತ್. ವೊವಿಯೊ ಘ್ಣಿತೆಲ್ಯಾಂಚೆ ತಾಳೆ ನಾಜೂಕ್ ಆಸೊನ್ ಕಾರ್ಯಾಕ್ ಏಕ್ ವಿಶೇಸ್ ಕಳಾ ಆಸ್ತಾಲಿ.

ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾಚೊ ತೊ ಭರ್ಮ್ ಆನಿ ನಾಜುಕಾಯ್ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಕಾಳಾಚ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂನಿ ಾಂಬಾಳ್ನ್ಯಾಕ್ ಕಿತೆಂ ಕರ್ಯೆತ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾ ಸವಾಲಾಕ್ ಮೊನ್ಸಿಂಜೊರ್ ಮ್ಹಣ್ತಾ 'ಏಕ್ಲ್ಯಾನ್ ಕ್ ವೊವಿ ಮ್ಹಳಿ ಮ್ಹಣೊನ್ ಅನೇಕ್ಲ್ಯಾನ್ ವಿಂಚ್ಲ್ಯಾಯ್ ಏಕ್ ಭಾಶೆಚೊ ಸಬ್ದ್ ಕಾಡ್ನ್ ಾಕಾ ತಾಳ್ ಪಡಾನಾ ಜಾಲ್ಯಾರ್‌ಯಿ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್. ಅಸಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಬರ್ಯೊ ಾಗಾನಾಂತ್ ಆನಿ ಕಸಲೆಂಯ್ ಆಕರ್ಷಣ್ ಘೊಗಾನಾ. ಅಸಲಿ ವಾಡಾವಳ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಾರಂಪರಿಕ್ ಸಂಪ್ರದಾಯಾಕ್ ವ್ಯತಿರಿಕ್ತ್ ಜಾವ್ನಾಸಾ. ಆದ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೊ ಲೊಕಾಚ್ಯಾ ೊಂಡಾಂತ್ ಆಸಾತ್, ತ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ತೆಚ್ ತಾಳೆ ಪ್ರಣ್ ಸಂದರ್ಭಾತೆಕಿದ್ ನವೆ ಸಬ್ದ್ ಘಾಲ್ನ್ ರಚ್ಲ್ಯಾರ್ ವೊವಿಯೊ ಗಾಂವ್ಕ್ ಆಕರ್ಷಣ್ ಯೇತ್'.

10.2 ಬಾಪ್ ಪ್ರತಾಪ್ ನಾಯ್ಕ್ ಜೆ.ಸ. (68 ವರ್ಸಾಂ ಪ್ರಾಯ್)

ಬಾಪ್ ಪ್ರತಾಪ್ ನಾಯ್ಕ್ ಜೆ.ಸ. ಗೊಂಯ್ಚೊ, ಕೊಂಕ್ಣೆಚೊ ಏಕ್ ಮಾಲ್ಘಡೊ ಸಾಹಿತಿ. ಹಾಂಚ್ಯಾ ಪರ್ಮಾಣೆಂ ಹಿಂದು ಸಮಾಜೆಂತ್ ತಾಂಚ್ಯಾ ಸಾಮಾಜಿಕ್ ತಶೆಂ ಧಾರ್ಮಿಕ್ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ವೊವಿಯೊ ಆರಂಭ್ ಜಾಲ್ಯೊ. ತ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂನಿ ಹಿಂದು ದೇವ್ ದೇವತಾಂಚೊ ಉಲ್ಲೇಕ್ ಯೆತಾ ಆನಿ ನವ್ರ್ಯಾಕ್ ತಶೆಂಚ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಜಾಯ್ ತಿ ಬೂದ್‌ಬಾಳ್, ಜಾಣ್ತ್ಯಾಯ್. ಮಾಹೆತ್ ಮೆಳ್ತಾ. ತ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ತಾಂಣಿಂ ಕಸೊ ಆಪ್ಲೊ ಫುಡಾರ್ ಚಲಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್ ಆನಿ ಕಶೆಂ ಆಪ್ಲೆಂ ಕುಟಾಮ್ ಸಾಂಬಾಳುಂಕ್ ಜಾಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆವಿಶಿಂ ಮಾಹೆತ್ ಮೆಳ್ತಾ.

ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂಚೆ ಮೂಳ್ ಗೊಂಯ್. ಗೊಂಯಾಂತ್ ಪ್ರುಸ್ತುಗಜಾಂಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಕನ್ವೆರ್ತ್ ಜಾಲ್ಲೆ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ತಾಂಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾ ಸೊಬಾಣಾಂನಿ ತ್ಯೊಚ್ ವೊವಿಯೊ

आसल्लेकडे जेजू, सांतेरी म्हांय आसल्लेकडे कोसेसांव सायबीण या रुजार सायबीण म्हण बदलून घेतलें. दाकल्याक,

- येज्मान्या राया कितें तुजी चीत, हाचाकी वर्तें गणपती देव दीत.
- कोसेस माय येता वाट झाड्या, गगार पाटोळें सोड्या तिच्ये पांय वाटेक.

आशें वोवियो धाराळ मापान उपरांत आख्या केनरांत आनी हेर कडेन पाचारल्यात बा. प्रताप एक वोवियेचो दाकलो दीवन ह्या परी विवरण दिता.

सकाळीं उटोन केळीक घाल गोबर, घोवागेली खबर सांगोनाका आवयगेर (सोव्या बसताना)

ही एक आर्थाभरीत, सादी वोवी. हे वोवियेंत होकलेक एक जाग्वणी आसा 'तिच्या नवऱ्याच्या घरा कितें जाता, कितें शिजता वा कितेंयी चडुणें जाता, तें कुळार येवन सांगुंक नजो. सांगल्यार त्या वर्वीं झगडीं जातात आनी कुटमां मधें मनसताप उबजता'.

आज काल्च्या क्रिसतांव काजारांनी वोवियांचो महत्व उणो जाला. हाका कितें कारण जाव्येत म्हळ्ळ्या सवालाक बा. प्रताप जवाब जावन म्हणता 'आतां काजार होलांत जाल्लेवर्वीं वोवियांचो विसर पडला मात्र न्हंय, थोडेकडे नांच जाल्यात. गोंयांत क्रिसतांव काजारांनी आतां वोवियो नांतच म्हण्येत कित्याक आतां साद्या लोकाचीं काजारांय होलांतच जातात'.

'ही परिस्थिती उबजल्या आमच्या जीवनाचे पद्धतेक लागोन. आतां वोवियो जर खंय तरी उरल्यात जाल्यार केवल दोन रुपार. एक ज्यो कितें बर्पीं रुपार आसात त्यो आनी प्रायेसत स्त्रीयां कडें आसात त्यो. पूण मालघड्यांक अदल्यो वोवियो आतां उडासाक येनांत. कित्याक म्हळ्यार वोवियो म्हणचे आवकास मोसत उणे जाल्यात. आजकाल पुसतकां पळेवन वोवियो म्हणचेबरी, आदल्यो स्त्रीयो म्हणानातल्ल्यो. तांणीं म्हणच्यो तांच्या उडासा थावन मात्र'.

वोवियो पंताटाविशीं बा. प्रताप म्हणता 'नवऱ्यागेलीं आपल्या नवऱ्याची व्हडवीक वा ताच्या कुटमाची व्हडवीक गायताना, होकलेगेलीं सोडन दीनातल्लीं. होकलेचें, तिच्या कुटमाचें, तिच्या गुणांचें वर्णन त्या वोवियां मुकांत्र जातालें. असल्यो वोवियो बरवन दवरल्ल्यो नासल्यो. त्यो त्या वेळार विरोध पक्ष कितें म्हणता त्या प्रकार संदर्भाक सरी जावन घडच्यो आनी तक्षण जवाबी रुपार म्हणच्यो.

ಪಾರ್ ಕರುಂಕ್ ಲಾಗ್ಲೆ. ತಾಂತು ಗಣಪತಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಕಡೆ ಜೆಜು, ಸಾಂತೆರ ಮ್ಹಾಂಯ್ ಸ್‌ಲ್ಲೆಕಡೆ ಕೊಸೆಸಾಂವ್ ಸಾಯ್ಬಿಣ್ ಯಾ ರುಜಾರ್ ಸಾಯ್ಬಿಣ್ ಮ್ಹಣ್ ಬದ್ಲುನ್ ಘೆತ್ಲೆಂ. ಕ್ಲ್ಯಾರ್.

ಯೆಜ್ಮಾನ್ಸ್ಯಾ ರಾಯಾ ಕಿತೆಂ ತುಜಿ ಚೀತ್, ಹಾಚಾಕೀ ವರ್ತೆಂ ಗಣ್ಪತಿ ದೇವ್ ದೀತ್.

ಕೊಸೆಸ್ ಮಾಯ್ ಯೆತಾ ವಾಟ್ ಝುಡ್ಯಾ, ಗಗಾರ್ ಪಾಟೊಳೆಂ ಸೊಡ್ಯಾ ತಿಚ್ಯೆ ಪಾಂಯ್ ವಾಟೆಕ್.

ಅಶೆಂ ವೊಪಿಯೊ ಧಾರಾಳ್ ಮಾಪಾನ್ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾ ಕೆನರಾಂತ್ ಆನಿ ಹರ್ ಡೆನ್ ಪಾಚಾರ್ಲ್ಯಾತ್. ಬಾ. ಪ್ರತಾಪ್ ಏಕ್ ವೊಪಿಯೆಚೊ ದಾಕ್ಲೊ ದೀವ್ನ್ ಹ್ಯಾ ಪರಿ ವರಣ್ ದಿತಾ.

ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ಕೆಳಿಕ್ ಘಾಲ್ ಗೊಬರ್, ಘೊವಾಗೆಲಿ ಖಬರ್ ಸಾಂಗೊನಾಕಾ ವಯ್‌ಗೆರ್ (ಸೊವ್ಯಾರ್ ಬಸ್ತಾನಾ)

ಹಿ ಏಕ್ ಅರ್ಥಾಭರಿತ್, ಸಾದಿ ವೊಪಿ. ಹೆ ವೊಪಿಯೆಂತ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಏಕ್ ಜಾಗ್ರಣಿ ಸಾ. 'ತಿಚ್ಯಾ ನವ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಘರಾ ಕಿತೆಂ ಜಾತಾ, ಕಿತೆಂ ಶಿಜ್ತಾ ವಾ ಕಿತೆಂಯಿ ಚಡುಣೆಂ ಜಾತಾ, ಕುಳಾರಾ ಯೇವ್ನ್ ಸಾಂಗುಂಕ್ ನಜೊ. ಸಾಂಗ್ಲ್ಯಾರ್ ತ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ಝುಗ್ಡಿಂ ಜಾತಾತ್ ನಿ ಕುಟ್ಮಾಂ ಮಧೆಂ ಮನಸ್ತಾಪ್ ಉಬ್ಜತಾ'.

ಆಜ್ ಕಾಲ್ಚ್ಯಾ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ವೊಪಿಯಾಂಚೊ ಮಹತ್ವ್ ಉಣೊ ಜಾಲಾ. ಹಾಕಾ ಕಿತೆಂ ಕಾರಣ್ ಜಾವ್ನೆತ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾ ಸವಾಲಾಕ್ ಬಾ. ಪ್ರತಾಪ್ ಜವಾಬ್ ಜಾವ್ನ್ ಮ್ಹಣ್ತಾ 'ಆತಾಂ ಕಾಜಾರಾಂ ಹೊಲಾಂತ್ ಜಾಲ್ಲೆವರ್ವಿಂ ವೊಪಿಯಾಂಚೊ ಪಿಸರ್ ಪಡ್ಲಾ ಮಾತ್ರ್ ಯ್, ಥೊಡೆಕಡೆ ನಾಂಚ್ ಜಾಲ್ಯಾತ್. ಗೊಂಯಾಂತ್ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ಆತಾಂ ವೊಪಿಯೊ ನಾಂತ್‌ಚ್ ಮ್ಹಣ್ಯೆತ್ ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಆತಾಂ ಸಾದ್ಯಾ ಲೊಕಾಚಿಂ ಕಾಜಾರಾಂಯ್ ಹೊಲಾಂತ್‌ಚ್ ಜಾತಾತ್'.

'ಹಿ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಉಬ್ಜಲ್ಯಾ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಜೀವನಾಚೆ ಪದ್ಧತೆಕ್ ಲಾಗೊನ್. ಆತಾಂ ವೊಪಿಯೊ ಬರ್ ಖಂಯ್ ತರೀ ಉರ್ಲ್ಯಾತ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಕೇವಲ್ ದೋನ್ ರುಪಾರ್. ಏಕ್ ಜೊ ಕಿತೆಂ ವರ್ವಿಂ ರುಪಾರ್ ಆಸಾತ್ ತ್ಯೊ ಆನಿ ಪ್ರಾಯೆಸ್ತ್ ಸ್ತ್ರೀಯಾಂ ಕಡೆಂ ಆಸಾತ್ ತ್ಯೊ. ಫುಣ್ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಕ್ ಅದ್ಲ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ಆತಾಂ ಉಡಾಸಾಕ್ ಯೇನಾಂತ್. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚೆ ಅವ್ಕಾಸ್ ಮೊಸ್ತ್ ಉಣೆ ಜಾಲ್ಯಾತ್. ಅಜ್‌ಕಾಲ್ ಪುಸ್ತಕಾಂ ಪಳೆವ್ನ್ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚೆಬರಿ. ಆದ್ಲ್ಯೊ ಸ್ತ್ರೀಯೊ ಮ್ಹಣಾನಾತ್‌ಲ್ಯೊ, ತಾಂಣಿ ಮ್ಹಣ್ಲ್ಯೊ, ತಾಂಚ್ಯಾ ಉಡಾಸಾ ಥಾವ್ನ್ ಮಾತ್ರ್'.

ವೊಪಿಯೊ ಪಂತಾಚಾಪಿಶಿಂ ಬಾ. ಪ್ರತಾಪ್ ಮ್ಹಣ್ತಾ 'ನವ್ರ್ಯಾಗೆಲಿಂ ಅಪ್ಲ್ಯಾ ನವ್ರ್ಯಾಚಿ ವ್ಹಡ್ವಿಕ್ ವಾ ತಾಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಚಿ ವ್ಹಡ್ವಿಕ್ ಗಾಯ್ತಾನಾ. ಹೊಕ್ಲೆಗೆಲಿಂ ಸೊಡ್ನ್ ದೀನಾತ್‌ಲ್ಲಿಂ. ಹೊಕ್ಲೆಚೆಂ, ತಿಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಚೆಂ, ತಿಚ್ಯಾ ಗುಣಾಂಚೆಂ ವರ್ಣನ್ ತ್ಯಾ ವೊಪಿಯಾಂ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಜಾತಾಲೆಂ. ಅಸಲ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ಬರವ್ನ್ ದವರ್‌ಲ್ಲ್ಯೊ ನಾಸ್ಲ್ಯೊ. ತ್ಯೊ ತ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ವಿರೋಧ್ ಪಕ್ಷ್ ಕಿತೆಂ ಮ್ಹಣ್ತಾ ತ್ಯಾ ಪ್ರಕಾರ್ ಸಂದರ್ಭಾಕ್ ಸರಿ ಜಾವ್ನ್ ಘಡ್ಲ್ಯೊ ಆನಿ ತಕ್ಷಣ್ ಜವಾಬಿ ರುಪಾರ್ ಮ್ಹಣ್ಲ್ಯೊ'.

१०.३ श्री रोय क्यासतेलिनो (५९ वर्सां प्राय)

कुलशेकरचो श्री रोय क्यासतेलिनो कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमिचो माजी आध्यक्ष. हाचे प्रकार आयच्या काळार काजारां होलांत जाल्लेवर्वी, काजाराच्या दिसा वोवियो पर्गट थरान म्हणोंक आवकास जायना. आदीं माटवांत गांवच्यो स्त्रीयो सगळ्यो सांगाता वेडो घालन होकलेक साडो नेसयताना तांकां जायतो वेळ गर्ज आसल्लो ह्या वेळा स्त्रीयो सबार वोवियो म्हणोंक अवकास आसल्लो.ह्यो वोवियो म्हणचो संपरदाय स्त्रीयांनी आयच्या काळार साडो नेसंवच्या कुडांत पुणी गावन जिवाळ दवरिजय.

१०.४ श्रीमती ऐरीन रेबेल्लो (५० वर्सां प्राय)

श्रीमती ऐरीन रेबेल्लो, कोंकणी लोकवेद संसकृतिचो एक भाग जावनासच्या वोवियां-वेर्सा विश्यांत चिंताप आटवन लाभल्ल्यो वोवियो सांगाता घालन तांचें विशलेषण केल्ली कीर्त तिका फावो जाता. हिणें तयार केल्लो 'भायल्यान आयलो वोर' म्हळ्ळो वोवियां वेर्स संग्रह दोन पावटीं छापून आयला (२००७, २००८). ह्या बुकाचो वापार बर्पूर मापान ह्या संशोधीक पुसतकांत जाला.

मांड सोभाणाच्या आधीन आसच्या 'सुमेळ' पंगडान आदल्या वोवियांक नव्या ताळ्यांनी सजवन एक नवें रूप दीवंक प्रयोग चलयला. पयलो प्रकार ७८ ताळार आनी दुस्रो ४४ ताळार आसात. ह्या नव्या ताळ्याच्या वोवियांनी सब्द-साहित्य आदलेंच दवरून ताळो मात्र आधुनीक काळाच्या पिळगेक पसंद जांवचेबरी बदलून 'नव्यो वोवियो' म्हळ्ळी सिडी भायर काडल्या. हो पंगड सांपरदायीक ताळ्यांच्यो तशेंच नव्या ताळ्यांच्यो वोवियो आसक्त आसल्ल्यांक तरबेती दिंवचो वावर करून आसा म्हळ्ळें कळवंक अभिमान भोग्ता.

हांगासर उबजोंचें सहज सवाल म्हळ्यार वोवियो एक लोकवेदाचो प्रकार, आदीं थावन वोवियो गांवचो हो प्रकार लोकांनी मानून घेतला. जर, सांपरदायीक ताळो बदलून नवो ताळो बसयलो जाल्यार हें लोकवेदाचो प्रकार जावन उर्तागी?

ह्या सवालाक जवाब जावन ऐरीन रेबेल्लो म्हणता 'जर तर आमची ग्रेसत संसकृती, गितां गायानां वा वोवियो वेर्स आमच्या मुकल्या पिळगेक, आधुनीक वेळा काळाक सरी जावन साहित्य बदली करिनासताना, आकरषीत संगीताक ताळ मेळचे रंगीन ताळे बसवन गायल्यार आनी मुकारयी बाळवोंच्या खातीर हें प्रयतन गर्ज आसा.'

.3 ಶ್ರೀ ರೊಯ್ ಕ್ಯಾಸ್ತೆಲಿನೊ (59 ವರ್ಸಾಂ ಪ್ರಾಯ್)

ಕುಲ್ಶೇಕರ್ಚೊ ಶ್ರೀ ರೊಯ್ ಕ್ಯಾಸ್ತೆಲಿನೊ ಕರ್ನಾಟಕ ೊಂಕಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ಅಕಾಡೆಮಿಚೊ ಮಾಜಿ ಅಧ್ಯಕ್ಷ್. ಹಾಚೆ ಕಾರ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾತ್ ಕಾಳಾರ್ ಕಾಜಾರಾಂ ಹೊಲಾಂತ್ ಪ್ಲೆವರ್ಪಿಂ, ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ವ್ಹೋಪಿಯೊ ಪರ್ಗಟ್ ಾನ್ ಮ್ಹಣೊಂಕ್ ಆವ್ಕಾಸ್ ಜಾಯ್ನಾ. ಆದಿಂ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಂವ್ರ್ಯೊ, ಸ್ತ್ರೀಯೊ ಸಗ್ಳ್ಯೊ ಸಾಂಗಾತಾ ವೆಡೊ ಘಾಲ್ನ್ ಕ್ಲರ್ ಸಾಡೊ ನೆಸಯ್ನಾಸ್ತಾ ತಾಂಕಾಂ ಜಾಯ್ತೊ ವೇಳ್ ರ್ಜ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ಹ್ಯಾ ವೆಳಾ ಸ್ತ್ರೀಯೊ ಸಭಾರ್ ವ್ಹೋಪಿಯೊ ಹಣೊಂಕ್ ಅವ್ಕಾಸ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಹ್ಯೊ ವ್ಹೋಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚೊ ಂಪ್ರದಾಯ್ ಸ್ತ್ರೀಯಾಂನಿ ಆಯ್ಲ್ಯಾತ್ ಕಾಳಾರ್ ಸಾಡೊ ನೆಸಂವ್ಚ್ಯಾತ್ ಕುಡಾಂತ್ ಫುಣಿ ಗಾವ್ನ್ ವಾಳ್ ದವರಿಜೆಯ್.

0.4 ಶ್ರೀಮತಿ ಐರಿನ್ ರೆಬೆಲ್ಲೊ (50 ವರ್ಸಾಂ ಪ್ರಾಯ್)

ಶ್ರೀಮತಿ ಐರಿನ್ ರೆಬೆಲ್ಲೊ. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೊಕ್‌ವೆದ್ ಂಸ್ಕೃತೆಚೊ ಏಕ್ ಭಾಗ್ ಜಾವ್ನಾಸ್ಲ್ಯಾತ್ ವ್ಹೋಪಿಯಾಂ-ವೇರ್ಸಾಂ ಾಂತ್ ಚಿಂತಾಪ್ ಆಟವ್ನ್ ಲಾಭ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವ್ಹೋಪಿಯೊ ಾಂಗಾತಾ ಘಾಲ್ನ್ ತಾಂಚೆಂ ಪ್ರಸ್ತೇಪಣ್ ಕೆಲ್ಲಿ ಕೀರ್ತ್ ತಿಕಾ ಾವ್ಪ್ ಜಾತಾ. ಹಿಗೆಂ ತಯಾರ್ ಕೆಲ್ಲೊ 'ಭಾಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಯ್ಲೊ ವ್ಹೋರ್' ಮ್ಹಳ್ಳೊ ವ್ಹೋಪಿಯಾಂ ವೇರ್ಸ್ ಸಂಗ್ರಹ್ ಹೋನ್ ಪಾಟ್ಲಿಂ ಛಾಪುನ್ ಆಯ್ಲಾ (2007, 2008). ಹ್ಯಾ ಏಕಾಚೊ ವಾಪಾರ್ ಬಪ್ರೂರ್ ಮಾಪಾನ್ ಹ್ಯಾ ಸಂಶೋಧಿಕ್ ಪುಸ್ತಕಾಂತ್ ಜಾಲಾ.

ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣಾಚ್ಯಾ ಆಧೀನ್ ಅಸ್ಚ್ಯಾ 'ಸುಮೇಳ್' ಪಂಗ್ಡಾನ್ ಆದ್ಲ್ಯಾ ವ್ಹೋಪಿಯಾಂಕ್ ನವ್ಯಾ ತಾಳ್ಯಾಂನಿ ಸಜವ್ನ್ ಏಕ್ ನವೆಂ ರೂಪ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಪ್ರಯೋಗ್ ಕೆಲಿಯ್ಲಾ. ಪಯ್ಲೊ ಪ್ರಕಾರ್ 7x8 ತಾಳಾರ್ ಆಸಿ ದುಸೊ 4x4 ತಾಳಾರ್ ಆಸಾತ್. ಹ್ಯಾ ನವ್ಯಾ ತಾಳ್ಯಾಚ್ಯಾ ವ್ಹೋಪಿಯಾಂನಿ ಸಬ್ದ್-ಸಾಹಿತ್ ಆದ್ಲೆಂಚ್ ದವರುನ್ ತಾಳೊ ಮಾತ್ರ್ ಆಧುನಿಕ್ ಕಾಳಾಚ್ಯಾ ಭಿಕ್ಕಿಕ್ ಪಸಂದ್ ಜಾಂವ್ಚೆಪರಿ ಬದ್ಲುನ್ 'ನವ್ಯೊ ವ್ಹೋಪಿಯೊ' ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಪಿಡಿ ಛಾಯ್ ಕಾಡ್ಲ್ಯಾತ್. ಹೊ ಪಂಗಡ್ ಸಾಂಪ್ರದಾಯಿಕ್ ತಾಳ್ಯಾಂಚ್ಯೊ ತಶೆಂಚ್ ನವ್ಯಾ ತಾಳ್ಯಾಂಚ್ಯೊ ವ್ಹೋಪಿಯೊ ಆಸಕ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ತರ್ಬೆತಿ ದಿಂವ್ನ್ ಪಾವ್ಲ್ ಕರುನ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಕಳಂವ್ಕ್ ಅಭಿಮಾನ್ ಭೊಗ್ತಾ.

ಹಾಂಗಾಸರ್ ಉಟ್ಚೊಂಚೆಂ ಸಹಜ್ ಸವಾಲ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ವ್ಹೋಪಿಯೊ ಏಕ್ ಲೊಕ್‌ವೆದಾಚೊ ಪ್ರಕಾರ್. ಆದಿಂ ಥಾವ್ನ್ ವ್ಹೋಪಿಯೊ ಗಾಂವ್ಚ್ಯೊ ಹೊ ಪ್ರಕಾರ್ ಲೊಕಾಂನಿ ಮಾನುನ್ ಘೆತ್ಲಾ. ಜರ್, ಸಾಂಪ್ರದಾಯಿಕ್ ತಾಳೊ ಬದ್ಲುನ್ ನವೊ ತಾಳೊ ಬಸಯ್ಲೊ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಹೆಂ ಲೊಕ್‌ವೆದಾಚೊ ಪ್ರಕಾರ್ ಜಾವ್ನ್ ಉರ್ತಾಗೀ?

ಹ್ಯಾ ಸವಾಲಾಕ್ ಜವಾಬ್ ಜಾವ್ನ್ ಐರಿನ್ ರೆಬೆಲ್ಲೊ ಮ್ಹಣ್ತಾ 'ಜರ್ ತರ್ ಆಮ್ಚಿ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿ, ಗಿತಾಂ ಗಾಯಾನಾಂ ವಾ ವ್ಹೋಪಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಪಿಳ್ಗೆಕ್, ಆಧುನಿಕ್ ವೆಳಾ ಕಾಳಾಕ್ ಸರಿ ಜಾವ್ನ್ ಸಾಹಿತ್ ಬದ್ಲಿ ಕರಿನಾಸ್ತಾನಾ, ಆಕರ್ಷಿತ್ ಸಂಗೀತಾಕ್ ತಾಳ್ ಮೆಳ್ಚೆ ರಂಗೀನ್ ತಾಳೆ ಬಸವ್ನ್ ಗಾಯ್ಲ್ಯಾರ್ ತಿ ಮುಕಾರಾಯ ಪಾಳ್ಗ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಹೆಂ ಪ್ರಯತನ್ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ.'

जशें गुमटां कोंकणी लोकवेदाचो प्रकार, तरी मातियेचीं गुमटां पयणावेळा जाग्या थावन जाग्याक सागसुंक भोव त्रासाचें जाता. गुमटां पुटोन विभाड जांवचो संभव आसा. त्या देकून फैबराचीं गुमटां रचीत कर्न गुमटां संसकृती उरंवचें प्रयतन कुडम्यांनी तशेंच उत्तर कन्नड जिल्ल्यांनी चलोन आसा. वेळा काळाक सरी जावन, ही व्यवस्था संसकृती सांबाळुंक आनी हाचो प्रसार करुंक गर्जेची.

१०.५ श्री आडी रेगो (५५ वर्सां प्राय)

बेंदूरचो५ श्री आडी रेगो व्याप्तेन एक ब्यांक अधिकारी. ताका आसचें एक तालेंत म्हळ्यार तक्षण संदर्भाक आनी व्यक्तीक सर जावन वोवियो तयार कर्च्यो आनी गांवच्यो. ह्यो वोवियो तयार कर्ताना तो म्हणता 'म्हाका कुटमाची लागशिल्यान व्हळक आसल्ल्या वेळार त्या रोसा कार्‍याक्रमांत होकलेक वा नवर्‍याक वा तांच्या कुटमाक संतोसभरीत कर्च्यो वोवियो घडतां. पूण मन दुकंवच्यो वा खोडी काडच्यो वोवियो बिल्कूल म्हणानां'. देकीक,

- वीरप्पनाक पोलिसांनी घालो गुळो, जिवांत जाला भर्ती शेंबर किलो होकले बापय तुजो.
- सकाळीं उटोन वाचतां हांव उदयवाणी, स्टेट ब्यांकांतली राणी होकले आवय तुजी.
- नंतूर्च्या कद्री हिल्सांत आसा आकाशवाणी, कुलशेकर्ची राणी आमची होकाल बाय.

१०.६ श्री विकटर लोबो (६१ वर्सां प्राय)

बजाल्चो श्री विकटर लोबो एक फामाद कोंकणी कार्‍यें निर्वाहक. हो मानेसत विशेस थरान रोसाचें कार्‍यें वोवियां- वेर्सांनीच निर्वहण कर्ता. वोवियां विशीं ताचो अनुभव हे परी आसा.

वोवियांनी आदीं आसल्लो सांसकृतीक महत्व आतां ना. आतां आदलेपरीं वोवियो आयकोंक मेळानांत. आदीं अपूट कोंकणेंत आनी साक्र्या ताळ्यान वोवियो म्हणतालीं. तांतूं पोजडीं आनी दोड्या आर्थाचीं उत्रां वापारिनातल्ले. तमाशे कर्च्यांत एक मीत आसल्ली. पूण आज वोवियांच्या नांवान खेसतांवां घडतात. वोवियांनी होकले, नवर्‍याक आनी कुटमाच्या सांद्यांक म्हन दुकचे सब्द खंचेय आसोंक नजो. पूण आजकाल मनोरंजनाच्या नांवान हें सगळें जाता.

ಜಶೆಂ ಗುಮ್ಟಾಂ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೊಕ್‌ವೆದಾಚೊ ಪ್ರಕಾರ್, ತಶೀ ಮಾತಿಯೆಚಿಂ ಗುಮ್ಟಾಂ ಖ್ಯಾವೆಳಾ ಜಾಗ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಜಾಗ್ಯಾಕ್ ಸಾಗ್ಲುಂಕ್ ಘೋವ್ ತ್ರಾಸಾಚೆಂ ಜಾತಾ. ಗುಮ್ಟಾಂ ಟೊನ್ ಪಿಭಾಡ್ ಜಾಂವ್ಚೊ ಸಂಭವ್ ಆಸಾ. ತ್ಯಾ ದೆಕುನ್ ಫೈಬರಾಚಿಂ ಗುಮ್ಟಾಂ ತೆತ್ ಕರ್ನ್ ಗುಮ್ಟಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಉರಂವ್ಚೆಂ ಪ್ರಯತನ್ ಕುಡ್ಯಾಂನಿ ತಶೆಂಚ್ ಉತ್ತರ್ ಡ್ ಜಿಲ್ಲ್ಯಾಂನಿ ಚಲೊನ್ ಆಸಾ. ವೆಳಾ ಕಾಳಾಕ್ ಸರಿ ಜಾವ್ನ್ ಹಿ ವ್ಯವಸ್ಥಾ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಂಬಾಳುಂಕ್ ಆನಿ ಹಾಚೊ ಪ್ರಸಾರ್ ಕರುಂಕ್ ಗರ್ಜೆಚಿ.

10.5 ಶ್ರೀ ಆಡಿ ರೇಗೊ (55 ವರ್ಸಾಂ ಪ್ರಾಯ್)



ಬೆಂದುರ್ಚೊ ಶ್ರೀ ಆಡಿ ರೇಗೊ ವ್ಯಾಪ್ತೆನ್ ಏಕ್ ಬ್ಯಾಂಕ್ ಧಿಕಾರಿ. ತಾಕಾ ಆಸ್ಚೆಂ ಏಕ್ ತಾಲೆಂತ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ತಕ್ಷಣ್ ಸಂದರ್ಭಾಕ್ ಆನಿ ವ್ಯಕ್ತಿಕ್ ಸರ್ ಜಾವ್ನ್ ವೊಪಿಯೊ ತಯಾರ್ ರ್ಚ್ಯೊ ಆನಿ ಗಾಂವ್ಚ್ಯೊ. ಹ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ತಯಾರ್ ರ್ತಾನಾ ತೊ ಮ್ಹಣ್ತಾ 'ಮ್ಹಾಕಾ ಕುಟ್ಮಾಚಿ ಲಾಗ್ತಿಲ್ಯಾನ್ ವ್ಹಳಕ್ ಸಲ್ಲ್ಯಾ ವೆಳಾರ್ ತ್ಯಾ ರೊಸಾ ಕಾರ್ಯಾಕ್ರಮಾಂತ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ವಾ ನವ್ರ್ಯಾಕ್ ವಾ ತಾಂಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾಕ್ ಸಂತೊಸ್ಭರಿತ್ ಕರ್ಚ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ಘಡ್ತಾಂ. ಪುಣ್ ಮನ್ ದುಕಂವ್ಚ್ಯೊ ವಾ ಖೊಡಿ ಕಾಡ್ಚ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ಜಿಲ್ಕುಲ್ ಮ್ಹಣಾನಾಂ'. ದೆಕಿಕ್.

- ಪೀರಪ್ಪನಾಕ್ ಪೊಲಿಸಾಂನಿ ಘಾಲೊ ಗುಳೊ. ಜಿವಾಂತ್ ಜಾಲಾ ಭರ್ತಿ ಶೆಂಬರ್ ಕಿಲೊ ಹೊಕ್ಲೆ ಬಾಪಯ್ ತುಜೊ.
- ಸಕಾಳಿಂ ಉಟೊನ್ ವಾಚ್ತಾಂ ಹಾಂವ್ ಉದಯವಾಣಿ. ಸ್ಟೇಟ್ ಬ್ಯಾಂಕಾಂತ್ಲಿ ರಾಣಿ ಹೊಕ್ಲೆ ಆವಯ್ ತುಜಿ.
- ನಂತೂರ್ಚ್ಯಾ ಕದ್ರಿ ಹಿಲ್ಸಾಂತ್ ಆಸಾ ಆಕಾಶವಾಣಿ. ಕುಲ್ಶೇಕರ್ಚಿ ರಾಣಿ ಆಮ್ಚಿ ಹೊಕಾಲ್ ಬಾಯ್.

10.6 ಶ್ರೀ ವಿಕ್ಟರ್ ಲೋಬೊ (61 ವರ್ಸಾಂ ಪ್ರಾಯ್)

ಬಜಾಲ್ಚೊ ಶ್ರೀ ವಿಕ್ಟರ್ ಲೋಬೊ ಏಕ್ ಫಾಮಾದ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾರ್ಯೆಂ ನಿರ್ವಾಹಕ್. ಹೊ ಮಾನೆಸ್ತ್ ವಿಶೇಸ್ ಥರಾನ್ ರೊಸಾಚೆಂ ಕಾರ್ಯೆಂ ವೊಪಿಯಾಂ- ವೆರ್ಸಾಂನಿಚ್ ನಿರ್ವಹಣ್ ಕರ್ತಾ. ವೊಪಿಯಾಂ ವಿಶಿಂ ತಾಚೊ ಅನುಭವ್ ಹೆ ಪರಿ ಆಸಾ.

ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಆದಿಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ಸಾಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ಮಹತ್ವ್ ಆತಾಂ ನಾ. ಆತಾಂ ಅದ್ಲೆಪರಿಂ ವೊಪಿಯೊ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಮೆಳಾನಾಂತ್. ಆದಿಂ ಅಪ್ಪುಟ್ ಕೊಂಕ್ಣೆಂತ್ ಆನಿ ಸಾರ್ಕ್ಯಾ ತಾಳ್ಯಾನ್ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾಲಿಂ. ತಾಂತುಂ ಪೊಜ್ಜೆಂ ಆನಿ ದೊಡ್ಯಾ ಅರ್ಥಾಚೆಂ ಉತ್ರಾಂ ವಾಪಾರಿನಾತ್‌ಲ್ಲಿಂ. ತಮಾಶೆ ಕರ್ಚ್ಯಾಂತ್ ಏಕ್ ಮೀತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ. ಪುಣ್ ಆಜ್ ವೊಪಿಯಾಂಚ್ಯಾ ನಾಂವಾನ್ ಬೆಸ್ತಾಂವಾಂ ಘಡ್ತಾತ್. ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಹೊಕ್ಲೆ, ನವ್ರ್ಯಾಕ್ ಆನಿ ಕುಟ್ಮಾಚ್ಯಾ ಸಾಂವ್ದ್ಯಾಂಕ್ ಮ್ಹನ್ ದುಕ್ಚೆ ಸಪ್ಟ್ ಖಂಚೆಯ್ ಆಸೊಂಕ್ ನಜೊ. ಪುಣ್ ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ಮನೋರಂಜನಾಚ್ಯಾ ನಾಂವಾನ್ ಹೆಂ ಸಗ್ಳೆಂ ಜಾತಾ.

वोवियांचो कोंकणी संपरदाय कसो उरोंवचो म्हळ्ळ्या सवालाक श्री विक्टर म्हणता 'आतांची परिस्थिती पळेल्यार वोवियो चड काळ उरनांत म्हण भोगता. केवल ५० वर्सां वयलीं मात्र वोवियो म्हणतात. तर्न्या पिळगेक बिल्कूल हाचो महत्व कळाना अनी हांतू कसलीच अभिरूच ना. आशें जाल्ल्यान ही संसकृती मुकार्सून वर्तेली कोण म्हळ्ळें सवाल धोसता. सोभाय आसची तोंडपाशीं वोवियांक मात्र. भाड्याच्या मनश्यांक हाडचें, सिडी वापर्च्यो, बूक पळेंवचें वा बरवन हाडन म्हणचें नाटकशें दिसता. केदाळायी संदर्भाक सरी जावन वोवियो रचिजाय आनी म्हणाजाय. ह्या वर्वीं वोवियां भंडार चडता आनी वोवियो म्हणोंक आत्रेग चडता'.

ताणें घडल्ल्यो थोड्यो वोवियो हांगा सकयल आसात.

- वोवळ्यांच्या आंगार रंग रंग साडियो, चंद चंद देडियो आमच्या होकलेक.
- देडियांच्या मात्यार एक्की नां पिंत, कोल्गेटाचे दांत आमच्या होकलेचे.
- होरेताच्या तोंडार फ्रेंच खाड मिशी, अवणूं आयली खुशी ताका काजाराची.

१०.७ श्रीमती फ्लोरीन सिकवेरा (९० वर्सां प्राय)

आजकाल वोवियो फकत रोसा दिसा मात्र आमच्या भुर्ग्यांक आयकोंक मेळतात, काजारा दिसा वोवियो आयकोंक मेळानांत म्हळ्ळ्ळ्या सवालाक श्रीमती फ्लोरीन म्हणता आदीं वोवियो रोसा दिसा आनीक काजाराच्या माटवांत साडो नेसयताना म्हणतालीं. आजकाल लोकाकडे पयशे जाल्यात देकून होलां भाड्याक घेवन काजार सोबाणां थंयसर जातात.

रोसा दिसा इल्ल्यो वोवियो आनी अपरूब इल्लो वेर्स आयकोंक मेळता. "म्हाका उबें रावोंक जायना तरी वाड्यांत रोस आसल्यार म्हाका वोवियो म्हणोंक आपवन व्हरतामत. कदेलार उगडासांत आसल्ल्यो अपूट आधल्यो वोवियो गायतां," म्हणता कुलशेकरचीव फ्लोरीन बाय.

१०.८ वोवियो म्हणच्या रितिंत तफावत

प्रादेशीक उच्चाराच्या प्रभावन एका गांवा थावन अन्येका गांवांत वोवियो म्हणच्या रितिंत इल्लो तफावत आसा. मालघड्यांनी वोवियो म्हणच्या रितीक आनी आतांच्या तर्नाट्यांनी म्हणच्या रितीक व्यत्यास आसा. दाकल्याक,

ವೊವಿಯಾಂಚೊ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಪ್ರದಾಯ್ ಕಸೊ ಉರೊಂವ್ದೊ ಮ್ಹಳ್ಯಾ ಸವಾಲಾಕ್ ಪಿಕ್ಟರ್ ಮ್ಹಣ್ತಾ 'ಆತಾಂಚಿ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಪಳೆಲ್ಯಾರ್ ವೊವಿಯೊ ಚಡ್ ಕಾಳ್ ಉರನಾಂತ್ ...ಣ್ ಭೊಗ್ತಾ. ಕೇವಲ್ 50 ವರ್ಸಾಂ ವಯ್ಲಿಂ ಮಾತ್ರ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್. ತರ್ನ್ಯಾ ...ಳ್ಗಿರ್ ಜಿಲ್ಕುಲ್ ಹಾಚೊ ಮಹತ್ವ್ ಕಳಾನಾ ಆನಿ ಹಾಂತು ಕಸಲಿಚ್ ಅಭಿರೂಚ್ ನಾ. ಆಶೆಂ ...ಲ್ಲ್ಯಾನ್ ಹಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಮುಕಾರ್ಸುನ್ ವರ್ತೆಲಿಂ ಕೋಣ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಸವಾಲ್ ಧೊಸ್ತಾ. ...ಭಾಯ್ ಆಸ್ಚಿ ತೊಂಡ್ಲಾಲಿಂ ವೊವಿಯಾಂಕ್ ಮಾತ್ರ್. ಭಾಡ್ಯಾಚ್ಯಾ ಮನ್ಸ್ಯಾಂಕ್ ಹಾಡ್ಣೆಂ. ...ದಿ ವಾಪರ್ಚ್ಯೊ. ಬೂಕ್ ಪಳೆಂವ್ಣೆಂ ವಾ ಬರವ್ನ್ ಹಾಡ್ನ್ ಮ್ಹಣ್ಣೆಂ ನಾಟಕೀಶೆಂ ದಿಸ್ತಾ. ...ವಾಳಾಯಿ ಸಂದರ್ಭಾಕ್ ಸರಿ ಜಾವ್ನ್ ವೊವಿಯೊ ರಚಿಜಾಯ್ ಆನಿ ಮ್ಹಣಾಜಾಯ್. ಹ್ಯಾ ...ರ್ಸಾಂ ವೊವಿಯಾಂ ಭಂಡಾರ್ ಚಡ್ತಾ ಆನಿ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣೊಂಕ್ ಆತ್ರೆಗ್ ಚಡ್ತಾ'.

...ಶೆಂ ಘಡ್ಲ್ಲ್ಯೊ ಥೊಡ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಹಾಂಗಾ ಸಕಯ್ಲ್ ಆಸಾತ್.

- ವೊವ್ಯಾಂಚ್ಯಾ ಆಂಗಾರ್ ರಂಗ್ ರಂಗ್ ಸಾಡಿಯೊ, ಚಂದ್ ಚಂದ್ ದೆಡಿಯೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆರ್.
- ದೆಡಿಯಾಂಚ್ಯಾ ಮಾತ್ಯಾರ್ ಎಕ್ಕಿ ನಾಂವ್ ಪಿಂತ್, ಕೊಲ್ಗೆಟಾಚೆ ದಾಂತ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹೊಕ್ಲೆಚೆ.
- ಮೊರೆತಾಚ್ಯಾ ತೊಂಡಾರ್ ಫ್ರೆಂಚ್ ಬಾಡ್ ಪುಲಿ, ಅಪ್ಣಾಂ ಆಯ್ಲಿ ಪುಲಿ ತಾಕಾ ಕಾಜಾರಾಚಿ.

10.7 ಶ್ರೀಮತಿ ಫ್ಲೋರಿನ್ ಸಿಕ್ವೇರಾ (90 ವರ್ಸಾಂ ಪ್ರಾಯ್)

ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ವೊವಿಯೊ ಫಕತ್ ರೊಸಾ ದಿಸಾ ಮಾತ್ರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಘುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾತ್. ಕಾಜಾರಾ ದಿಸಾ ವೊವಿಯೊ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಮೆಳಾನಾಂತ್ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ಸವಾಲಾಕ್ ಶ್ರೀಮತಿ ಫ್ಲೋರಿನ್ ಮ್ಹಣ್ತಾ ಆದಿಂ ವೊವಿಯೊ ರೊಸಾ ದಿಸಾ ಆನಿಕ್ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಸಾಡೊ ನೆಸಯ್ತಾನಾ ಮ್ಹಣ್ತಾಲಿಂ. ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ಲೊಕಾಕಡೆ ಪಯ್ಶೆ ಜಾಲ್ಯಾತ್ ದೆಕುನ್ ಹೊಲಾಂ ಭಾಡ್ಯಾಕ್ ಘೆವ್ನ್ ಕಾಜಾರ್ ಸೊಬಾಣಾಂ ಥಂಯ್ಸರ್ ಜಾತಾತ್.

ರೊಸಾ ದಿಸಾ ಇಲ್ಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಆನಿ ಅಪೂಟ್ ಇಲ್ಲೊ ವೇರ್ಸ್ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಮೆಳ್ತಾ. "ಮ್ಹಾಕಾ ಉಬೆಂ ರಾವೊಂಕ್ ಜಾಯ್ನಾ ತರೀ ವಾಡ್ಯಾಂತ್ ರೋಸ್ ಆಸ್ಲ್ಯಾರ್ ಮ್ಹಾಕಾ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣೊಂಕ್ ಆಪವ್ನ್ ವ್ಹರ್ತಾತ್. ಕದೆಲಾರ್ ಬಗ್ಲಾಸಾಂತ್ ಬಸ್ಲ್ಯೊ ಅಪುಟ್ ಆಧ್ಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಗಾಯ್ತಾಂ." ಮ್ಹಣ್ತಾ ಕುಲ್ಶೇಕರ್ಚಿ ಫ್ಲೋರಿನ್ ಬಾಯ್.

10.8 ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾ ರಿತಿಂತ್ ತಫಾವತ್

ಪ್ರಾದೇಶಿಕ್ ಉಚ್ಚಾರಾಚ್ಯಾ ಪ್ರಭಾವನ್ ಏಕಾ ಗಾಂವಾ ಥಾವ್ನ್ ಅನ್ಯೇಕಾ ಗಾಂವಾಂತ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾ ರಿತಿಂತ್ ಇಲ್ಲೊ ತಫಾವತ್ ಆಸಾ. ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂನಿ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾ ರಿತಿಕ್ ಆನಿ ಆತಾಂಚ್ಯಾ ತರ್ನಾಟ್ಯಾಂನಿ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾ ರಿತಿಕ್ ವ್ಯತ್ಯಾಸ್ ಆಸಾ. ವಾಕ್ಲ್ಯಾಕ್.

मालघड्यांचो विभाग



श्रीमती मागदेलीन आरान्हा गंटालकट्टे (८९) **श्रीमती फ्लोरीन फेर्नांडीस किन्निगोळी (८९)** **श्रीमती एवलीन मोंतेरो वामंजूर (८०)**

ह्या तेगांय मालघड्यांनी वोवियो म्हणच्या रितिंत नाजूकाय आसा. सब्दांची सुढाळाय आनी गुंडाय आसोन, रंगीन ताळ्यान वोवियो म्हणचें म्हाका दिसोन आयलें.

एवलीनबायेन म्हळ्ळ्यो अदल्यो दोन विभिन्न वोवियो आश्यो आसात.

- आमी आयल्यांव वोवियो गावंक न्हंय जेवंक, च्यार वोवियो गावन आमचें आर्थ पाववंक.
- सकाळीं हाडल्ल्या होकलेक सांजेर वर्न पांवचें, इतलें जेवाण केलांय कोणें जेंवचें.

व्हडिलांचो विभाग

श्री सिपरियन पिंटो गंटालकट्टे (६१) **श्रीमती ग्रेट्टा आरान्हा गंटालकट्टे (५८)** **श्रीमती ग्रेसी लसादो मूडबिद्री (५७)** **श्री अनील डिकुन्हा होस्पेट (५३)**

ह्या मध्यम प्रायेच्या व्यक्तिंनी गांवच्या वोवियांच्या रितीक आनी मालघड्यांनी गांवच्या वोवियां रितीक व्यत्यास दिसोन येता. वोविये सब्द उच्चार कर्च्या रितिंत तशेंच ताळ्यांतयी थोडो तफावत दिसता. मालघडीं सवकास म्हणतात तर, मध्यम प्रायेच्यांनी इल्लें वेगान म्हणचें कळोन आयलें.

ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಚೊ ವಿಭಾಗ್

ಶ್ರೀಮತಿ ಮಾಗ್ದಲಿನ್ ಆರಾನ್ನಾ
ಗಂಟಾಲ್‌ಕಟ್ಟೆ (89)

ಶ್ರೀಮತಿ ಫ್ಲೋರಿನ್ ಫೆರ್ನಾಂಡಿಸ್
ಕಿನ್ನಿಗೋಳಿ (89)

ಶ್ರೀಮತಿ ಎಪ್ಲಿನ್ ಮೊಂತೆರೊ
ವಾಮಂಜೂರ್ (80)

ಹ್ಯಾ ತೆಗಾಂಯ್ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂನಿ ವ್ಹೊಪಿಯೊ ಮ್ಹುಣ್ಟ್ಯಾ ರಿತಿಂತ್ ಸಾಜೂಕಾಯ್ ಆಸಾ. ಸಬ್ದಾಂಚಿ ಸುಧಾಳಾಯ್ ಆನಿ ಗುಂಡಾಯ್ ಆಸೊನ್, ರಂಗೀನ್ ತಾಳ್ಯಾನ್ ವ್ಹೊಪಿಯೊ ಮ್ಹುಣ್ಚೆಂ ಮ್ಹಾಕಾ ದಿಸೊನ್ ಆಯ್ಲೆಂ.

ಎಪ್ಲಿನ್‌ಬಾಯೆನ್ ಮ್ಹುಳ್ಳ್ಯಾ ಅದ್ಲ್ಯಾ ದೋನ್ ವಿಭಿನ್ನ್ ವ್ಹೊವಿಯೊ ಅಶ್ಯೊ ಆಸಾತ್.

- ಆಮಿ ಆಯ್ತಾರಾಂವ್ ವ್ಹೊಪಿಯೊ ಗಾಂವ್ಕ್ ಸ್ಟುಂಯ್ ಜೇಂವ್ಕ್, ಜ್ಯಾರ್ ವ್ಹೊಪಿಯೊ ಗಾವ್ನ್ ಆಮ್ಚೆಂ ಆರ್ಥ್ ಪಾವಂವ್ಕ್.
- ಸಕಾಳಿಂ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಯೊಕ್ಲೆಕ್ ಸಾಂಜೆರ್ ವರ್ನ್ ಪಾಂವ್ಚೆಂ. ಇತ್ಲೆಂ ಜೆವಾಣ್ ಕೆಲಾಂಯ್ ಕೊಣೆಂ ಜೆಂವ್ಚೆಂ.

ವ್ಹಡಿಲಾಂಚೊ ವಿಭಾಗ್


ಶ್ರೀ ಸಿಪ್ರಿಯನ್ ಪಿಂಟೊ
ಗಂಟಾಲ್‌ಕಟ್ಟೆ (61)

ಶ್ರೀಮತಿ ಗ್ರೆಟ್ಟಾ ಆರಾನ್ನಾ
ಗಂಟಾಲ್‌ಕಟ್ಟೆ (58)


ಶ್ರೀಮತಿ ಗ್ರೇಸಿ ಲಸ್ರಾದೊ
ಮೂಡಬಿದ್ರಿ (57)

ಶ್ರೀ ಅನಿಲ್ ಡಿಕುನ್ಹಾ
ಹೊಸ್ಪೆಟ್ (53)

ಹ್ಯಾ ಮಧ್ಯಮ್ ಪ್ರಾಯೆಚ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿಂನಿ ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹೊಪಿಯಾಂಚ್ಯಾ ರಿತಿಕ್ ಆನಿ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂನಿ ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹೊಪಿಯಾಂ ರಿತಿಕ್ ವ್ಯತ್ಯಾಸ್ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾ. ವ್ಹೊಪಿಯೆ ಸಬ್ದ್ ಉಚ್ಚಾರ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ರಿತಿಂತ್ ತಶೆಂಚ್ ತಾಳ್ಯಾಂತ್‌ಯಿ ಥೊಡೊ ತಫಾವತ್ ದಿಸ್ತಾ. ಮಾಲ್ಘಡಿಂ ಸವ್ಕಾಸ್ ಮ್ಹುಣ್ತಾತ್ ತರ್, ಮಧ್ಯಮ್ ಪ್ರಾಯೆಚ್ಯಾಂನಿ ಇಲ್ಲೆಂ ವೇಗಾನ್ ಮ್ಹುಣ್ಚೆಂ ಕಳೊನ್ ಆಯ್ಲೆಂ.

युवजणांचो विभाग

श्री जोन मोंतेरो मिलार (४९)

श्रीमती लविना मोंतेरो मिलार (४३)

श्री आलवीन मिनेजस गंटालकट्टे (४२)

श्री सुनील मिरांदा गंटालकट्टे (४२)

मालघड्या, मध्यम प्रायेच्या आनी यूव प्रायेच्यांनी म्हणच्या वोवियांच्या ताळ्यांनी जायतो तफावत दिसोन येता. तर्नाट्यांक वोवियांचे सब्द तोंडपाशीं येनांत. आनी तांणीं म्हणच्या वोवियांचो ताळो आनी उत्रां आम्सोरी रितीन म्हळ्ळ्यावर्वीं नाजूकायेंत उणेपण दिसता.

प्रसतूत काळार काजारा माटवांत वोवियांची परिगत कशी आसा म्हण समजोन घेंवच्याक काजारां माटवांक भेट दीवन परिशीलन चलयताना म्हाका कळोन आयलें की, ह्या सांपरदायीक काऱ्या वेळार फकत रोस पुसताना म्हणच्यो वोवियो म्हणजे रोसाक बसयताना, कानाक तेल घाल्ताना, होकलेक, आवय, बापयक, कुटमाच्या सांद्याक आनी आयिल्ल्या सयऱ्यांक उद्देसून, रोस पुसताना तशेंच न्हाणवंक वर्ताना म्हणच्या वोवियांचे प्रकार माटवांत वापारल्ले आसोन, अपरूबशें वोवियांत जवाबी वोवियो घडल्ल्यो आसोन जायत्यो पोजडेपणाच्यो वोवियो तर, कोंकणिचें सब्द सोडून कन्नड, इंगलीष, हिंदी वा तुळू भाशेचे सब्द घालन आयचीं युवजणां वोवियो गायतात. हांगा वापारल्ले दिसोन आयल्यात. थोड्या वोवियांक जवाबी वोवियो जावन म्हळ्ळ्यो वोवियो आनी नव्यो वोवियो आयकोंक मेळ्ळ्यो.

ಯುವಜಣಾಂಚೊ ವಿಭಾಗ್

ಶ್ರೀ ಜೋನ್ ಮೊಂತೇರೊ ಮಿಲಾರ್ (49)

ಶ್ರೀಮತಿ ಲವಿನಾ ಮೊಂತೇರೊ ಮಿಲಾರ್ (43)

ಶ್ರೀ ಆಲ್ವಿನ್ ಮಿನೇಜಸ್ ಗಂಟಾಲ್‌ಕಟ್ಟೆ (42)

ಶ್ರೀ ಸುನಿಲ್ ಮಿರಾಂದಾ ಗಂಟಾಲ್‌ಕಟ್ಟೆ (42)

ಮ್ಹಾಲ್ಗಡ್ಯಾ, ಮಧ್ಯಮ್ ಪ್ರಾಯೆಚ್ಯಾ ಆನಿ ಯುವ ಪ್ರಾಯೆಚ್ಯಾಂನಿ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹೋವಿಯಾಂಚ್ಯಾ ತಾಳ್ಯಾಂನಿ ಜಾಯ್ತೊ ತಫಾವತ್ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾ. ತರ್ನಾಟ್ಯಾಂಕ್ ವ್ಹೋವಿಯಾಂಚೆ ಸಬ್ದ್ ತೊಂಡ್ಪಾಠಿಂ ಯೇನಾಂತ್. ಆನಿ ತಾಂಣಿಂ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹೋವಿಯಾಂಚೊ ತಾಳೊ ಆನಿ ಉತ್ರಾಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ರಿತಿನ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ವರ್ಪಾಂ ನಾಜೂಕಾಯೆಂತ್ ಉಣೆಪಣ್ ದಿಸ್ತಾ.

ಪ್ರಸ್ತುತ್ ಕಾಳಾರ್ ಕಾಜಾರಾ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ವ್ಹೋವಿಯಾಂಚಿ ಪರಿಗತ್ ಕಶಿ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ ಸಮ್ಜೊನ್ ಘೆಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ಕಾಜಾರಾಂ ಮಾಟ್ವಾಂಕ್ ಭೆಟ್ ದೀವ್ನ್ ಪರಿಶೀಲನ್ ಚಲಯ್ತಾನಾ ಮ್ಹಾಕಾ ಕಳೊನ್ ಆಯ್ಲೆಂ ಕೀ, ಹ್ಯಾ ಸಾಂಪ್ರದಾಯಿಕ್ ಕಾರ್ಯಾಂ ವೆಳಾರ್ ಫಕತ್ ರೋಸ್ ಪುಸ್ತಾನಾ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯೊ ವ್ಹೋವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚೆ ರೋಸಾಕ್ ಬಸಯ್ತಾನಾ, ಕಾನಾಕ್ ತೆಲ್ ಘಾಲ್ತಾನಾ, ಯೊಕ್ರೇಕ್, ಆವಯ್, ಬಾಪಯ್ಕ್, ಕುಟ್ಮಾಚ್ಯಾ ಸಾಂದ್ಯಾಕ್ ಆನಿ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ಸೈರ್ಯಾಂಕ್ ಉದ್ದೇಸುನ್, ರೋಸ್ ಪುಸ್ತಾನಾ ತಶೆಂಚ್ ನ್ಹಾಣಂವ್ಕ್ ವರ್ತಾನಾ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾ ವ್ಹೋವಿಯಾಂಚೆ ಪ್ರಕಾರ್ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ವಾಪಾರ್ಲ್ಲೆ ಆಸೊನ್, ಅಪ್ರೂಪ್‌ಶೆಂ ವ್ಹೋವಿಯಾಂತ್ ಜವಾಬಿ ವ್ಹೋವಿಯೊ ಘಡ್ಲ್ಯೊ, ಆಸೊನ್ ಜಾಯ್ತ್ಯೊ ಪ್ರೋತ್ಸಹಣಾಚ್ಯೊ ವ್ಹೋವಿಯೊ ತರ್, ಕೊಂಕ್ಣಿಚೆಂ ಸಬ್ದ್ ಸೊಡುನ್ ಕನ್ನಡ, ಇಂಗ್ಲಿಷ್, ಹಿಂದಿ ವಾ ತುಳು ಭಾಶೆಚೆ ಸಬ್ದ್ ಘಾಲ್ನ್ ಆಯ್ಚಿಂ ಯುವಜಣಾಂ ವ್ಹೋವಿಯೊ ಗಾಯ್ತಾತ್. ಹಾಂಗಾ ವಾಪಾರ್ಲ್ಲಿ ದಿಸೊನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾತ್. ಥೊಡ್ಯಾ ವ್ಹೋವಿಯಾಂಕ್ ಜವಾಬಿ ವ್ಹೋವಿಯೊ ಜಾವ್ನ್ ಮ್ಹಳ್ಯೊ, ವ್ಹೋವಿಯೊ ಆನಿ ನವ್ಯೊ ವ್ಹೋವಿಯೊ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಮೆಳ್ಳ್ಯೊ.

अध्याय ११. वोवियां संसकृतिविशीं समीक्षा आनी विशलेषण

वोवियां वेर्साचो प्रसतूत वापार आनी गत समजोन घेंवच्याक शेंबर जणांक भेटोन समिक्षा चलयली. ह्या समीक्षेंत अरवारस हळ्ळेच्या लोकाक तशेंच अन्येक अरवाणस पेंटेंतल्या लोका मुकांत्र समीक्षा चलयल्या. ह्या समीक्षेंत तीन वर्ग आसल्ले.

पयलो वर्ग: १६–३० वर्सां, दुस्रो वर्ग: ३१–६० वर्सां, तिस्रो वर्ग: ६० वर्सां वयर.



ह्या समीक्षेंत लाभल्ली प्रतिक्रिया ह्या परीं विशलेषण केल्या.

सवाल १: वोवियो आमच्या कोंकणी संसकृतेचो एक मुळावो प्रकार म्हण ओप्ताय?

ह्या सवालाक ७४ जणांक वोवियो आमच्या कोंकणी संसकृतेचो एक मुळावो प्रकार म्हण जाणवाय आसा म्हळ्ळें स्पषट जाता.



ಅಧ್ಯಾಯ್ 11. ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿವಿಶಿಂ ಸಮೀಕ್ಷಾ ಆನಿ ವಿಶ್ಲೇಷಣ್

ವೊವಿಯಾಂ ವೆರ್ಸಾಚೊ ಪ್ರಸ್ತುತ್ ವಾಪಾರ್ ಆನಿ ಗತ್ ಸಮ್ಜೊನ್ ಘೆಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ಂಬರ್ ಜಣಾಂಕ್ ಭೆಟೊನ್ ಸಮೀಕ್ಷಾ ಚಲಯ್ಲಿ. ಹ್ಯಾ ಸಮೀಕ್ಷೆಂತ್ ಅರ್ದ್ಯಾಸ್ ಹಳ್ಳ್ಯಾಂ ಲೊಕಾಕ್ ತಶೆಂಚ್ ಅನ್ಯೆಕ್ ಅರ್ದ್ಯಾಸ್ ಪೆಂಟೆಂತ್ಲ್ಯಾ ಲೋಕಾ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಸಮೀಕ್ಷಾ ಚಲಯ್ಲ್ಯಾ. ಹ್ಯಾ ಸಮೀಕ್ಷೆಂತ್ ತೀನ್ ವರ್ಗ್ ಆಸ್ಲ್ಲೆ.

ಪಯ್ಲೊ ವರ್ಗ್: 16–30 ವರ್ಸಾಂ, ದುಸ್ರೊ ವರ್ಗ್: 31–60 ವರ್ಸಾಂ, ತಿಸ್ರೊ ವರ್ಗ್: 60 ವರ್ಸಾಂ ವಯ್ರ್.

7.2 – ಪ್ರಾಯೆ ಪರ್ಮಾಣೆಂ ನಮೂನೊ ವಾಂಟಾಪ್ – ಪೈ ಚಿತ್ರ್



ಹ್ಯಾ ಸಮೀಕ್ಷೆಂತ್ ಲಾಭ್‌ಲ್ಲಿ ಪ್ರತಿಕ್ರಿಯಾ ಹ್ಯಾ ಪರಿಂ ವಿಶ್ಲೇಷಣ್ ಕೆಲ್ಯಾ.

ಸವಾಲ್ 1: ವೊವಿಯೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚೊ ಏಕ್ ಮುಳಾವೊ ಪ್ರಕಾರ್ ಮ್ಹಣ್ ಒಪ್ತಾಯ್?

ಹ್ಯಾ ಸವಾಲಾಕ್ 74 ಜಣಾಂಕ್ ವೊವಿಯೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚೊ ಏಕ್ ಮುಳಾವೊ ಪ್ರಕಾರ್ ಮ್ಹಣ್ ಜಾಣ್ವಾಯ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಸ್ಪಷ್ಟ್ ಜಾತಾ.



सवाल २: प्रसतूत काळार आमच्या केनरा कोंकणी क्रिसतांव काजारांनी वोवियांक अदलोच महत्व उरलागी?

ह्या सवालाक ६६% लोकानीं केनरा कोंकणी क्रिसतांव काजारांनी वोवियांक अदलो महत्व थोड्या मट्टाक मात्र उरला म्हण अभिपराय दिल्या असतां, महत्व उरोवंक ना म्हण २७% जणांनी अभिपराय दिल्या. फकत्त ७% जणांनी अदलो महत्व उरला म्हण अभिपराय दिला. ह्या मुकांत्र कळोन येताकी कोंकणी क्रिसतांव काजारांनी आधुनिकतेवर्वीं वोवियांक महत्व उणो जाला.



सवाल ३: केनरात आयच्या काळार कोंकणी कातोलीक काजारांनी आदल्या वोवियांचें अपूटपण या अव्वलपण दिसोन येना?

ह्या सवालाक ५२% लोकान व्हय म्हणोन प्रतिक्रिया दिल्या. ४१% लोकान थोड्या मट्टाक अपूटपण सांबाळ्ळां म्हण अभिपराय दिल्या. फकत्त ४% लोकान न्हय म्हळां तर, ३% लोकान नेणां म्हळां. ह्या वर्वीं कळोन येताकी आतांच्या कोंकणी कातोलीक काजारांनी आधुनिकतेवर्वीं, वोवियांनी हेर भासांचे सब्द मिसळोन, अपभ्रंश जाल्यात म्हळ्ळो स्पषट अभिपराय आसा.



ಸವಾಲ್ 2: ಪ್ರಸ್ತುತ್ ಕಾಳಾರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೆನರಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ವೊವಿಯಾಂಕ್ ಅದ್ಲೊಚ್ ಮಹತ್ವ್ ಉರ್ಲಾಗೀ?

ಹ್ಯಾ ಸವಾಲಾಕ್ 66% ಲೊಕಾನಿಂ ಕೆನರಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ವೊವಿಯಾಂಕ್ ಅದ್ಲೊ ಮಹತ್ವ್ ಥೊಡ್ಯಾ ಮಟ್ಟಾರ್ ಮಾತ್ರ್ ಉರ್ಲಾ ಮ್ಹಣ್ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ದಿಲ್ಯಾ ಅಸ್ತಾಂ, ಮಹತ್ವ್ ಉರೊಂವ್ಕ್ ನಾ ಮ್ಹಣ್ 27% ಜಣಾಂನಿ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ದಿಲ್ಯಾ. ಫಕತ್ 7% ಜಣಾಂನಿ ಅದ್ಲೊ ಮಹತ್ವ್ ಉರ್ಲಾ ಮ್ಹಣ್ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ದಿಲಾ. ಹ್ಯಾ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಕಳೊನ್ ಯೆತಾಕೀ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ಆಧುನಿಕತೆವರ್ವಿಂ ವೊವಿಯಾಂಕ್ ಮಹತ್ವ್ ಉಣೊ ಜಾಲಾ.



ಸವಾಲ್ 3: ಕೆನರಾಂತ್ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ಆದ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂಚೆಂ ಅಪುಟ್‌ಪಣ್ ಯಾ ಅವ್ವಲ್‌ಪಣ್ ದಿಸೊನ್ ಯೆನಾ?

ಹ್ಯಾ ಸವಾಲಾಕ್ 52% ಲೊಕಾನ್ ವ್ಹಯ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಪ್ರತಿಕ್ರಿಯಾ ದಿಲ್ಯಾ. 41% ಲೊಕಾನ್ ಥೊಡ್ಯಾ ಮಟ್ಟಾರ್ ಅಪುಟ್‌ಪಣ್ ಸಾಂಬಾಳ್ಳಾಂ ಮ್ಹಣ್ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ದಿಲ್ಯಾ. ಫಕತ್ 4% ಲೊಕಾನ್ ನ್ಹಯ್ ಮ್ಹಳಾಂ ತರ್, 3% ಲೊಕಾನ್ ನೆಣಾಂ ಮ್ಹಳಾಂ. ಹ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ಕಳೊನ್ ಯೆತಾಕೀ ಆತಾಂಚ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ಆಧುನಿಕತೆವರ್ವಿಂ, ವೊವಿಯಾಂನಿ ಹೆರ್ ಭಾಸಾಂಚೆ ಸಬ್ದ್ ಮಿಸ್ಳೊನ್, ಅಪಭ್ರಂಶ್ ಜಾಲ್ಯಾತ್ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಸ್ಪಷ್ಟ್ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ಆಸಾ.



सवाल ४: केनरांत कातोलीक कोंकणी काजार सोबाणांनी वोवियो फकत्त बायलांनी म्हणची परिस्थिती दिसतागी?

कोंकणी कातोलीक काजारांनी चडावत स्त्रीयानिंच वोवियो म्हणची परिस्थिती आसा. तरी ६८% जण दादलेयी वोवियो म्हणतात म्हण अभिपराय दितात तर ३१% स्त्रीयो मात्र वोवियो म्हणतात म्हण अभिपराय दितात.



सवाल ५: वोवियो वेर्स व्हकले नोवऱ्याक बूदबाळ सांगुंक, होगळीक उचारुंक आनी इल्ले तमाशे करुंक एक संसकृतेचें माध्यम म्हण्येतगी?

ह्या सवालाक ७१% लोक सहमत दितात आनी २०% थोड्या मट्टाक व्हय म्हणतात. आशें वोवियो तर्न्या काजारी जोड्यांक सामाजीक आनी धार्मीक मौल्यां शिकंवचें एक माध्यम म्हण ओप्तात.



ಸವಾಲ್ 4: ಕೆನರಾಂತ್ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾಜಾರ್ ಸೊಬಾಣಾಂನಿ ವೊವಿಯೊ ಫಕತ್ ಗಾಯ್ಲ್ಯಾಂನಿ ಮ್ಹಣ್ಚಿ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ದಿಸ್ತಾಗೀ?

ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ಚಡಾವತ್ ಸ್ತ್ರೀಯಾನಿಂಚ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚಿ ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಆಸಾ. ತರೀ 68% ಜಣ್ ದಾದ್ಲೆಯೀ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್ ಮ್ಹಣ್ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ದಿತಾತ್ ತರ್ 31% ಸ್ತ್ರೀಯೊ ಮಾತ್ರ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್ ಮ್ಹಣ್ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ದಿತಾತ್.



ಸವಾಲ್ 5: ವೊವಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ವ್ಹಕ್ಲೆ ನೊವ್ರ್ಯಾಕ್ ಬೂದ್‌ಬಾಳ್ ಸಾಂಗುಂಕ್, ಹೊಗ್ಳಿಕ್ ಉಚಾರುಂಕ್ ಆನಿ ಇಲ್ಲೆ ತಮಾಶೆ ಕರುಂಕ್ ಏಕ್ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚೆಂ ಮಾಧ್ಯಮ್ ಮ್ಹಣ್ಯೆತ್‌ಗೀ?

ಹ್ಯಾ ಸವಾಲಾಕ್ 71% ಲೋಕ್ ಸಹಮತ್ ದಿತಾತ್ ಆನಿ 20% ಥೊಡ್ಯಾ ಮಟ್ಟಾಕ್ ವ್ಹಯ್ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್. ಆಶೆಂ ವೊವಿಯೊ ತರ್ನ್ಯಾ ಕಾಜಾರಿ ಜೊಡ್ಯಾಂಕ್ ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಆನಿ ಧಾರ್ಮಿಕ್ ಮೌಲ್ಯಾಂ ಶಿಕಂವ್ಚೆಂ ಏಕ್ ಮಾಧ್ಯಮ್ ಮ್ಹಣ್ ಒಪ್ತಾತ್.



सवाल ६: आर्दीं वोवियांनी वापरल्लीं अपूट कोंकणी उत्रां संसकृती, साहित्याची गुंडाय, आधुनीक काळार घडल्ल्या वोवियांनी दिसोन येना.

अदल्या वोवियांनी अपूट कोंकणी उत्रां झळकतात. पूण आयच्या काळार घडल्ल्या थोड्या वोवियांनी विवीध भासांचे थोडे सब्द भर्सोन वोवियो रचल्ल्यो आसात. आसल्यो वोवियो अदल्या कोंकणी संसकृतीक ताळ पडनांत. ह्या विश्यांत ४९% लोक सहमत दितात आनी ४४% थोड्या मट्टाक व्हय म्हणतात.



सवाल ७: वोवियांचो वापार चडोवंक आनी संसकृती उरोवंक जागृती, तरबेती, कान्यागार आनी संशोधन चलयल्यार बरें म्हण तुका भोग्तागी?

आजकाल वोवियांचो वापार फकत रोसाच्या कार्यांनी मात्र दिसता. काजारां होलांत जाल्लेवर्वीं काजाराच्यो वोवियो आयच्या पिळगेक आयकोंक अवकास मेळना. आशें मुकार गेल्यार काजाराच्यो वोवियो विस्रोन वेचो संभव आसा. देकून ह्या संसकृतेचो फुडार सांबाळच्याखातीर ९५% लोक जागृती, तरबेती, कार्यागार आनी संशोधन गर्ज आसा म्हणतात.



ಸವಾಲ್ 6: ಆದಿಂ ವೊವಿಯಾಂನಿ ವಾಪರ್‌ಲ್ಲಿಂ ಅಪುಟ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಉತ್ರಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿ, ಸಾಹಿತ್ಯಾಚಿ ಚಂಡಾಯ್, ಆಧುನಿಕ್ ಕಾಳಾರ್ ಘಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂನಿ ದಿಸೊನ್ ಯೇನಾ.

ಅದ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂನಿ ಅಪುಟ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಉತ್ರಾಂ ಝುಳ್ಕತಾತ್. ಪುಣ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಘಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಥೊಡ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂನಿ ವಿವಿಧ್ ಭಾಸಾಂಚೆ ಥೊಡೆ ಸಬ್ದ್ ಭರ್ಸೊನ್ ವೊವಿಯೊ ರಚ್‌ಲ್ಲ್ಯೊ ಆಸಾತ್. ಅಸಲ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಅದ್ಲ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ತಾಳ್ ಪಡನಾಂತ್. ಹ್ಯಾ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ 49% ಲೋಕ್ ಸಹಮತ್ ದಿತಾತ್ ಆನಿ 44% ಥೊಡ್ಯಾ ಮಟ್ಟಾರ್ ವ್ಹಯ್ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್.



ಸವಾಲ್ 7: ವೊವಿಯಾಂಚೊ ವಾಪಾರ್ ಚಡೊಂವ್ಕ್ ಆನಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಉರೊಂವ್ಕ್ ಜಾಗೃತಿ, ತರ್ಬೆತಿ, ಕಾರ್ಯಾಗಾರ್ ಆನಿ ಸಂಶೋಧನ್ ಚಲಯ್ಲ್ಯಾರ್ ಬರೆಂ ಮ್ಹಣ್ ತುಕಾ ಭೊಗ್ತಾಗೀ?

ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ವೊವಿಯಾಂಚೊ ವಾಪಾರ್ ಫಕತ್ ರೊಸಾಚ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ಮಾತ್ರ್ ದಿಸ್ತಾ.ಕಾಜಾರಾಂ ಹೊಲಾಂತ್ ಜಾಲ್ಲಿವರ್ವಿಂ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ಆಯ್ಕ್ಯಾ, ಶಿಕ್ಕ್ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಅವ್ಕಾಸ್ ಮೆಳನಾ. ಆತಂ ಮುಕಾರ್ ಗೆಲ್ಯಾರ್ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯೊ ವೊವಿಯೊ ವಿಸ್ರೊನ್ ವೆಚೊ ಸಂಭವ್ ಆಸಾ. ದೆಕುನ್ ಹ್ಯಾ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚೊ ಫುಡಾರ್ ಸಾಂಬಾಳ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ 95% ಲೋಕ್ ಜಾಗೃತಿ, ತರ್ಬೆತಿ, ಕಾರ್ಯಾಗಾರ್ ಆನಿ ಸಂಶೋಧನ್ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್.



सवाल ८: वोवियो कोंकणी लोकवेदाचो एक प्रकार, म्हणजे तोंडाथावन तोंडाक आयिल्लें तोंडी साहित्य म्हण तूं जाणांय?

वोवियो अदीं थावन तोंडपाशीं आयिल्लें लोकवेद साहित्य. ह्या विशीं ८३% लोक माहेत आसा म्हणतात तर १७% नेणां म्हणतात.



सवाल ९: माल्घड्यांथावन आयिल्ल्या वोवियांक तांचीच म्हळ्ळी एक रीत आसा. तरी आतां ह्या आधुनीक काळाच्या ताळ्यांक सरिजावन, अदलीं उत्रां बदलिनासताना गायलीं जाल्यार संसकृतिचो विभाड जातागी?

वोवियां संसकृती राकचेखातीर पाटल्या वर्सांनी मांड सोभाण सुमेळ पंगडान वोवियांचीं आदलीं उत्रां तशिंच दवर्न, ताळो मात्र बदलून वोवियो रचल्ल्यो आसात. पूण लोक ८६% लोक ह्या वर्वीं वोवियां संसकृती विभाड जाता म्हणतात. फकत ९% मात्र ह्या वर्वीं संसकृती उरव्येत म्हण अभिपराय दितात.



ವಾಲ್ 8: ವೊವಿಯೊ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೊಕ್‌ವೆದಾಚೊ ಏಕ್ ಪ್ರಕಾರ್. ಮ್ಹಣ್ಜೆ ತೊಂಡಾಥಾವ್ನ್ ಂಡಾಕ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ತೊಂಡಿ ಸಾಹಿತ್ಯ್ ಮ್ಹಣ್ ತುಂ ಜಾಣಾಂಯ್?

ವೊವಿಯೊ ಆದಿಂ ಥಾವ್ನ್ ತೊಂಡಾತಿಂ ಆಯಿಲ್ಲಿಂ ಲೊಕ್‌ವೆದ್ ಸಾಹಿತ್ಯ್. ಹ್ಯಾ ವಿಶಿಂ 3% ಲೋಕ್ ಮಾಹೆತ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್ ತರ್ 17% ನೆಣಾಂ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್.



ಸವಾಲ್ 9: ಮಾಲ್ಗಡ್ಯಾಂಥಾವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ವೊವಿಯಾಂಕ್ ತಾಂಚಿಚ್ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಏಕ್ ರೀತ್ ಆಸಾ. ತರೀ ಆತಾಂ ಹ್ಯಾ ಆಧುನಿಕ್ ಕಾಳಾಚ್ಯಾ ತಾಳ್ಯಾಂಕ್ ಸರಿಜಾವ್ನ್, ಅದ್ಲಿಂ ಉತ್ರಾಂ ಬದ್ಲಿನಾಸ್ತಾನಾ ಗಾಯ್ಲಿಂ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚೊ ವಿಭಾಡ್ ಜಾತಾಗಿ?

ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ರಾಕ್ಣೆಖಾತಿರ್ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾ ವರ್ಸಾಂನಿ ಮಾಂಡ್ ಸೊಭಾಣ್ ಸುಮೇಳ್ ಪಂಗ್ಡಾನ್ ವೊವಿಯಾಂಚಿಂ ಅದ್ಲಿಂ ಉತ್ರಾಂ ತಶಿಂಚ್ ದವರ್ನ್, ತಾಳೊ ಮಾತ್ರ್ ಬದ್ಲುನ್ ವೊವಿಯೊ ರಚ್‌ಲ್ಯೊ ಆಸಾತ್. ಪುಣ್ ಲೋಕ್ 86% ಲೋಕ್ ಹ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ವಿಭಾಡ್ ಜಾತಾ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್. ಫಕತ್ 9% ಮಾತ್ ಹ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಉರವ್ತೆತ್ ಮ್ಹಣ್ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ದಿತಾತ್.



सवाल १०: वोवियो सार्क्यारितीर सुढाळ गांवच्या व्यक्तिंक पुरसकार, प्रोत्साह गर्ज आसा म्हण तुका भोग्तागी?

वोवियां संसकृती उरंवच्या खातीर वोवियो गांवच्या व्यक्तिंक ओळकोन घेवन तांकां पुरसकार, प्रोत्साह दिंवची गर्ज आसा म्हण ९१% लोक अभिपराय दिता. ह्या वर्वीं आमची तर्नाटीं वोवियो शिकोंक प्रेरण आनी तरबेती जोडतेलीं म्हण अभिपराय व्यक्त जाला.



सवाल ११ : आमच्या केनरा कोंकणी कातोलीक काजार सोबाणांनी कितलो वेळ वोवियो असाजाय म्हण तुजी अभिपराय?

आजकाल आमच्या केनरा कोंकणी कातोलीक काजारांनी मनोरंजनाक, सुंर्गाराक आनी आडंबराक महत्व चडल्ल्यावर्वीं वोवियो म्हणोंक जायपुर्तो वेळ ना जाला. ह्या सवालाच्या जवाबिंत फकत्त ५१% लोक फकत्त १० मिनुटांच्यो वोवियो आसल्यार पुरो म्हणतात तर १९% लोक १५ मिनुटां, २९% लोक २० मिनुटां आनी २१% लोक ३० मिनुटां जाय म्हणतात.



ವಾಲ್ 10: ವೊವಿಯೊ ಸಾರ್ಕ್ಯಾರಿತಿರ್ ಸುಧಾಳ್ ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿಂಕ್ ಪುರಸ್ಕಾರ್, ಪ್ರೋತ್ಸಾಹ್ ರ್ಜ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ ತುಕಾ ಭೊಗ್ತಾಗೀ?

ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಉರಂವ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ವೊಪಿಯೊ ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿಂಕ್ ಒಳ್ಕೊನ್ ಸೆವ್ನ್ ತಾಂಕಾಂ ಪುರಸ್ಕಾರ್, ಪ್ರೋತ್ಸಾಹ್ ದಿಂವ್ಚಿ ಗರ್ಜ್ ಆಸಾ ಮ್ಹಣ್ 91% ಲೋಕ್ ಭಿಪ್ರಾಯ್ ದಿತಾ. ಹ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ಆಮ್ಚಿ ತರ್ನಾಟಿಂ ವೊಪಿಯೊ ಶಿಕೊಂಕ್ ಪ್ರೇರಣ್ ಆನಿ ರ್ಬರ್ತಿ ಜೊಡ್ತೆಲಿಂ ಮ್ಹಣ್ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ವ್ಯಕ್ತ್ ಜಾಲಾ.



ಸವಾಲ್ 11: ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೆನರಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕಾಜಾರ್ ಸೊಬಾಣಾಂನಿ ಕಿತ್ಲೊ ವೇಳ್ ವೊವಿಯೊ ಅಸಾಜಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ ತುಜಿ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್?

ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ಮನೋರಂಜನಾಕ್, ಸುಂಗಾರಾಕ್ ಆನಿ ಆಡಂಬರಾಕ್ ಮಹತ್ವ್ ಚಡ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣೊಂಕ್ ಜಾಯ್‌ಪುರ್ತೊ ವೇಳ್ ನಾ ಜಾಲಾ. ಹ್ಯಾ ಸವಾಲಾಚ್ಯಾ ಜವಾಬಿಂತ್ ಫಕತ್ 51% ಲೋಕ್ ಫಕತ್ 10 ಮಿನುಟಾಂಚ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ಆಸ್ಲ್ಯಾರ್ ಪುರೊ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್ ತರ್ 19% ಲೋಕ್ 15 ಮಿನುಟಾಂ, 29% ಲೋಕ್ 20 ಮಿನುಟಾಂ ಆನಿ 21% ಲೋಕ್ 30 ಮಿನುಟಾಂ ಜಾಯ್ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್.



सवाल १२: कोड्याळांत केनरा कोंकणी कातोलीक क्रिसतांव काजारांनी/सोबाणांनी भाड्याक वोवियांच्या पंगडाक वा व्यक्तीक हाडन वा सिडी उप्येगकर्न वा पुसतकां पळेवन वोवियो गांवचें दिसोन येता. ह्या विशीं तुजो अभिपराय किर्तें?

आशें केल्लेवर्वीं संसकृती विभाड आनी विद्रूप जाता म्हळ्ळो जाणत्यांचो अभिपराय. ३१% लोक संसकृती पाळिजाय म्हळ्ळ्याखातीर, २९% संसकृती राकोन वर्चेखातीर २१% लोक मान्यादिखातीर आनी १९% लोक आडंबराखातीर आशें कर्तात म्हण अभिपराय दितात.



सवाल १३: आधुनीक वोवियांनी उतळ भास म्हणजे हेर भाशेंचे विवीध सब्द वापार्न, गायलेल्ल्या वोवियेक जवाब जावन तक्षण वोवियो रच्चें आमकां पळेवंक मेळता. ह्या वर्वीं कोंकणी संसकृतेचो आनी भाशेचो तारिफो वा देस्वाट जातागी?



ವಾಲ್ 12: ಕೊಡ್ಯಾಳಾಂತ್ ಕೆನರಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಕಾಜಾರಾಂನಿ/ಸೊಬಾಗಾಂನಿ ಾಡ್ಯಾಕ್ ವೊವಿಯಾಂಚ್ಯಾ ಪಂಗ್ಡಾಕ್ ವಾ ವ್ಯಕ್ತಿಕ್ ಹಾಡ್ನ್ ವಾ ಸಿಡಿ ಉಪ್ಯೇಗ್‌ಕರ್ನ್ ವಾ ುಸ್ತಕಾಂ ಪಳೆವ್ನ್ ವೊವಿಯೊ ಗಾಂವ್ಚೆಂ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾ. ಹ್ಯಾ ವಿಶಿಂ ತುಜೊ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ತೆಂ?

ಆಶೆಂ ಕೆಲ್ಲೆವರ್ವಿಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಪಿಘಾಡ್ ಆನಿ ಪಿದ್ರೂಪ್ ಜಾತಾ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಜಾಣ್ತ್ಯಾಂಚೊ ಭಿಪ್ರಾಯ್.31% ಲೋಕ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಪಾಳಿಜಾಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾಖಾತಿರ್. 29% ಸಂಸ್ಕೃತಿ ರಾಕೊನ್ ರ್ಚೆಖಾತಿರ್ 21% ಲೋಕ್ ಮಾರ್ಯಾದಿಖಾತಿರ್ ಆನಿ 19% ಲೋಕ್ ಆಡಂಬರಾಖಾತಿರ್ ಶೆಂ ಕರ್ತಾತ್ ಮ್ಹಣ್ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ದಿತಾತ್.



ಸವಾಲ್ 13: ಆಧುನಿಕ್ ವೊವಿಯಾಂನಿ ಉತಳ್ ಭಾಸ್ ಮ್ಹಣ್ಜೆ ಹೆರ್ ಭಾಶೆಂಚೆ ವಿವಿಧ್ ಸಬ್ದ್ ವಾಪಾರ್ನ್, ಗಾಯ್ಲೆಲ್ಯಾ ವೊವಿಯೆಕ್ ಜವಾಬ್ ಜಾವ್ನ್ ತಕ್ಷಣ್ ವೊವಿಯೊ ರಚ್ಚೆಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಮೆಳ್ತಾ. ಹ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚೊ ಆನಿ ಭಾಶೆಚೊ ತಾರಿಫೊ ವಾ ದೆಸ್ವಾಟ್ ಜಾತಾಗೀ?



वोवियो कोंकणी संसकृतिचो एक उत्तम प्रकार. सुर्विल्या वोवियांचे विशलेषण केल्यार तांतून अपूट कोंकणी उत्रां, नितळ आर्थ दिंवचे सब्द वापारल्ले आमी पळव्येत. पूण आयच्या काळार उतळ, पोजडे आनी दोड्या अर्थाचे सब्द उप्योग कर्न वोवियो रच्ची परिगत आसा. ह्या विशीं ४१% लोक संसकृतेची देस्वाट जाता म्हण अभिपराय दितात. ३३% लोक संसकृतेची देस्वाट जायना म्हणतात, १५% लोक वोवियांची ग्रेसतकाय चडंवच्याक हें एक साधन म्हणतात.

सवाल १४: आयच्या काळार वोवियो वेर्स वापारल्ल्यावर्वीं भेषटो वेळ विभाड जाता म्हणच्या शिणाविशीं तुजी प्रतिक्रिया किर्तें?

जमयिल्ल्या नमून्यांत ९७% पात्रदार आमच्या काजार सोबाणांनी वोवियो वापारल्ल्यावर्वीं वेळ विभाड जायना बगार आमची आपूर्व कोंकणी संसकृती सांबाळन राकोन व्हेल्ल्याबरी जाता. आशें ही संसकृती आमच्या मुकल्या पिळगेक कळीत जाता. काऱ्याचो गौरव आनी सोभाय चडता म्हळ्ळी अभिपराय उचारल्या.



सवाल १५: वोवियो वेर्साची कोंकणी संसकृती उरोंवच्याक आनी मुकल्या पिळगेक पावंवच्याक किर्तें कऱ्येत म्हळ्ळ्या सवालाक लाभल्लीं सूचनां.

- काऱ्यागार चलंवचें,
- इसकोलांनी, वोवियो संसकृती विश्यांत पठ्यक्रमांत अवकास,
- कोंकणी सोबाण काऱ्यांनी वोवियो कड्डाय कर्च्यो,
- वोवियांविशीं मोबैल आप, सिडी, डिविडी तयार कर्चें,
- सामाजीक काऱ्याक्रमांनी वोवियांविशीं जागृती दीजय.
- क्रीसती भावाडताचीं सतां, वोवियांरुपीं शिकवंक प्रयतन कऱ्येत,
- कोंकणी भास उलवंक शिकोन, वोवियो शिकच्यो,
- वाड्यांत जमाती वेळार ह्या विशीं तरबेती अनी स्पर्धे आसा कर्चें,

ವೊವಿಯೊ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚೊ ಏಕ್ ಉತ್ತಮ್ ಪ್ರಕಾರ್. ಸುರ್ಪಿಲ್ಯಾ ವೊಪಿಯಾಂಚೆ ಶ್ರೇಷಣ್ ಕೆಲ್ಯಾರ್ ತಾಂತುನ್ ಅಪುಟ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಉತ್ರಾಂ, ನಿತಳ್ ಆರ್ಥ್ ದಿಂವ್ಚೆ ಸಬ್ದ್ ಪಾರ್‌ಲ್ಲೆ ಆಮಿ ಪಳವ್ಯೆತ್. ಪುಣ್ ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಉತಳ್, ಪೊಜ್ಡೆ ಆನಿ ದೂಡ್ಯಾ ರ್ಥಾಚೆ ಸಬ್ದ್ ಉಪ್ಯೋಗ್ ಕರ್ನ್ ವೊವಿಯೊ ರಚ್ಚಿ ಪರಿಗತ್ ಆಸಾ. ಹ್ಯಾ ವಿಶಿಂ 41% ಲೋಕ್ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚಿ ದೆಸ್ವಾಟ್ ಜಾತಾ ಮ್ಹಣ್ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ದಿತಾತ್. 33% ಲೋಕ್ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚಿ ದೆಸ್ವಾಟ್ ಜಾಯ್ನಾ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್, 15% ಲೋಕ್ ವೊವಿಯಾಂಚಿ ಗ್ರೇಸ್ತ್‌ಕಾಯ್ ಚಡಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ಹೆಂ ಏಕ್ ಸಾಧನ್ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್.

ಸವಾಲ್ 14: ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ವೊವಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ವಾಪಾರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾವರ್ವಿಂ ಭೆಷ್ಟೊ ವೇಳ್ ವಿಭಾಡ್ ಜಾತಾ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯಾ ಶಿಣಾವಿಶಿಂ ತುಜಿ ಪ್ರತಿಕ್ರಿಯಾ ಕಿತೆಂ?

ಜಮಯಿಲ್ಲ್ಯಾ ನಮೂನ್ಯಾಂತ್ 97% ಪಾತ್ರ್‌ದಾರ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರ್ ಸೊಬಾಣಾಂನಿ ವೊವಿಯೊ ವಾಪಾರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾವರ್ವಿಂ ವೇಳ್ ವಿಭಾಡ್ ಜಾಯ್ನಾ ಬಗಾರ್ ಆಮ್ಚಿ ಆಪೂರ್ವ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಸಾಂಬಾಳ್ನ್ ರಾಕೊನ್ ವ್ಹೆಲ್ಲ್ಯಾಬರಿ ಜಾತಾ. ಆಶೆಂ ಹಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಪಿಳ್ಗೆಕ್ ಕಳಿತ್ ಜಾತಾ. ಕಾರ್ಯಾಚೊ ಗೌರವ್ ಆನಿ ಸೊಭಾಯ್ ಚಡ್ತಾ ಮ್ಹಳ್ಳಿ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ಉಚಾರ್ಲ್ಯಾ.



ಸವಾಲ್ 15: ವೊವಿಯೊ ವೆರ್ಸಾಚಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಉರೊಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ಆನಿ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಪಿಳ್ಗೆಕ್ ಪಾವಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ಕಿತೆಂ ಕರ್ಯೆತ್ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ಸವಾಲಾಕ್ ಲಾಭ್‌ಲ್ಲಿಂ ಸೂಚನಾಂ.

- ಕಾರ್ಯಾಗಾರ್ ಚಲಂವ್ಚೆಂ.
- ಇಸ್ಕೊಲಾಂನಿ. ವೊವಿಯೊ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ಪಠ್ಯಕ್ರಮಾಂತ್ ಅವ್ಯಾಸ್.
- ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸೊಬಾಣ್ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ವೊವಿಯೊ ಕಡ್ಡಾಯ್ ಕರ್ಚ್ಯೊ.
- ವೊವಿಯಾಂವಿಶಿಂ ಮೊಬೈಲ್ ಆ್ಯಪ್, ಸಿಡಿ, ಡಿವಿಡಿ ತಯಾರ್ ಕರ್ಚೆಂ.
- ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಕಾರ್ಯಾಕ್ರಮಾಂನಿ ವೊವಿಯಾಂವಿಶಿಂ ಜಾಗೃತಿ ದೀಜಯ್.
- ಕ್ರೀಸ್ತಿ ಭಾವಾಡ್ತ್ಯಾಚಿಂ ಸತಾಂ. ವೊವಿಯಾಂರುಪಿಂ ಶಿಕಂವ್ಕ್ ಪ್ರಯತನ್ ಕರ್ಯೆತ್.
- ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಸ್ ಉಲಂವ್ಕ್ ಶಿಕೊನ್, ವೊವಿಯೊ ಶಿಕ್ಚ್ಯೊ.
- ವಾಡ್ಯಾಂತ್ ಜಮಾತಿ ವೆಳಾರ್ ಹ್ಯಾ ವಿಶಿಂ ತರ್ಬೆತಿ ಆನಿ ಸ್ಪರ್ಧೆ ಆಸಾ ಕರ್ಚೆ.

- कातोलीक सभा वा यूव संघटानान दियेसेज, वाराडो, फिर्गज आनी वाड्या हंतार वोवियांचे स्पर्धे मांडून हाडचे,
- युवसंघटनां मुकांत्र तरबेती,
- काजारांक वा रोसाक भुर्ग्यांक व्हडिलांनी सांगाता वरून वोवियांविशीं समजणी दीजय, आनी काऱ्याक वेताना एक वा दोन वोवियो तयार कर्न भुर्ग्यांकर्ना सांगयजाय.
- काऱ्यानिर्वाहकान भुर्ग्यांक तशेंच तर्नाट्यांक वोवियो म्हणोंक आवकास कर्न दीजय आनी वोवियां वयर स्पर्धो चलवन इनाम दीजय.
- काऱ्यनिर्वाहकान गर्जेभायलें विवरण नियंत्रण कर्न आनी हेर खेळ उणे कर्न, वोवियांच्या स्पर्ध्यांत भुर्ग्यांनी, युवजणांनी आनी मालघड्यांनी पात्र घेंवचेबरी काऱ्यें मांडिजाय.
- रोसाक त्या दीस म्हणच्यो वोवियो छापून कडतिल्यो कर्न सयऱ्यांक वांटिजाय आनी सकडांक गावंक आवकास कर्न दीजय.
- रोसावेळीं वोवियांविशीं काऱ्यनिर्वाहकान लोकाक थोडी माहेत दिव्येत.
- कोंकणी घरांनी कुटमाचीं सांगाता मेळताना वोवियो म्हणची दसतूर आरंभ करिजाय.
- रेडियो, टिवी, अंतर्जाळ आनी इतर माध्यमां मुकांत्र प्रचार दीजय.
- मालघड्या वोवियो गावपी, गावपिण्यांनी माटवांत सकडांकी वोवियो गावंक आवकास कर्न दिंवचो.
- वोवियो गांवच्या व्यक्तिंक पुरसकार दीजय.
- व्हडिलांनी भुर्ग्यांक वोवियो गावंक प्रोत्साह दीजय.

सवाल १६: आमच्या नव्या पिळगेक (भुर्ग्यांक आनी तर्नाट्यांक) वोवियो वेर्साचो महत्व आनी वापार समजावंक कसलें साधन कऱ्येत म्हळ्ळ्या सवालाक आयिल्लीं सूचनां.

- मालघड्यांक आपवन तांचे थावन भुर्ग्यांक आनी तर्नाट्यांक वोवियांची तरबेती दिव्येत.
- कोंकणी घरांनी कुटमाचीं सांगाता मेळताना वोवियो म्हणची दसतूर आरंभ करिजाय.
- रेडियो, टिवी, अंतर्जाळ आनी इतर माध्यमां मुकांत्र प्रचार दीजय.
- वोवियांविशीं मोबैल आप, सिडी, डिविडी तयार कर्चें.
- इसकोलाच्या पठ्यक्रमांत वोवियांक अवकास.
- काऱ्यनिर्वाहकान चडीत विवरण मटवें कर्न आनी खेळ उणे कर्न वोवियांच्या स्पर्ध्यांक चड गमन दीजय.
- काऱ्यनिर्वाहकान गर्जेभायलें विवरण नियंत्रण कर्न आनी हेर खेळ उणे कर्न, वोवियांच्या स्पर्ध्यांत भुर्ग्यांनी, युवजणांनी आनी मालघड्यांनी पात्र घेंवचेबरी काऱ्यें मांडिजाय.
- नवे आकरषीत ताळे घडचे.

- ಕಾತೊಲಿಕ್ ಸಭಾ ವಾ ಯುವ ಸಂಘಟಾನಾನ್ ದಿಯೆಸೆಜ್, ವಾರಾಡೊ, ಫಿರ್ಗಜ್ ಆನಿ ವಾಡ್ಯಾ ಹಂತಾರ್ ವ್ಹೊವಿಯಾಂಚೆ ಸರ್ಧೆ ಮಾಂಡುನ್ ಹಾಡ್ಚೆ.
- ಯುವಸಂಘಟನಾಂ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ತರ್ಬೆತಿ.
- ಕಾಜಾರಾಂಕ್ ವಾ ರೊಸಾಕ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ವ್ಹಡಿಲಾಂನಿ ಸಾಂಗಾತಾ ವರುನ್ ವ್ಹೊವಿಯಾಂವಿಶಿಂ ಸಮ್ಜಣಿ ದೀಜಯ್. ಆನಿ ಕಾರ್ಯಾಕ್ ವೆತಾನಾ ಏಕ್ ವಾ ದೋನ್ ವ್ಹೊವಿಯೊ ತಯಾರ್ ಕರ್ನ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕರ್ನಾ ಸಾಂಗಯ್ಜಾಯ್.
- ಕಾರ್ಯಾನಿರ್ವಾಹಕಾನ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ತಶೆಂಚ್ ತರ್ನಾಟ್ಯಾಂಕ್ ವ್ಹೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣೊಂಕ್ ಅವ್ಕಾಸ್ ಕರ್ನ್ ದೀಜಯ್ ಆನಿ ವ್ಹೊವಿಯಾಂ ವಯ್ರ್ ಸ್ಪರ್ಧೊ ಚಲವ್ನ್ ಇನಾಮ್ ದೀಜಯ್.
- ಕಾರ್ಯನಿರ್ವಾಹಕಾನ್ ಗರ್ಜೆಭಾಯ್ಲೆಂ ವಿವರಣ್ ನಿಯಂತ್ರಣ್ ಕರ್ನ್ ಆನಿ ಹೆರ್ ಖೆಳ್ ಉಣೆ ಕರ್ನ್, ವ್ಹೊವಿಯಾಂಚ್ಯಾ ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಂತ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂನಿ, ಯುವಜಣಾಂನಿ ಆನಿ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂನಿ ಪಾತ್ರ್ ಘೆಂವ್ಚೆಬರಿ ಕಾರ್ಯೆಂ ಮಾಂಡಿಜಾಯ್.
- ರೊಸಾಕ್ ತ್ಯಾ ದೀಸ್ ಮ್ಹಣ್ಚ್ಯೊ ವ್ಹೊವಿಯೊ ಛಾಪುನ್ ಕಡ್ತಿಲ್ಯೊ ಕರ್ನ್ ಸಯ್ರ್ಯಾಂಕ್ ವಾಂಟಿಜಾಯ್ ಆನಿ ಸಕ್ಡಾಂಕ್ ಗಾಂವ್ಕ್ ಅವ್ಕಾಸ್ ಕರ್ನ್ ದೀಜಯ್.
- ರೊಸಾವೆಳಿಂ ವ್ಹೊವಿಯಾಂವಿಶಿಂ ಕಾರ್ಯನಿರ್ವಾಹಕಾನ್ ಲೊಕಾಕ್ ಥೊಡಿ ಮಾಹೆತ್ ದಿವ್ಯೆತ್.
- ಕೊಂಕ್ಣಿ ಘರಾಂನಿ ಕುಟ್ಮಾಚಿಂ ಸಾಂಗಾತಾ ಮೆಳ್ತಾನಾ ವ್ಹೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚಿ ದಸ್ತುರ್ ಆರಂಭ್ ಕರಿಜಾಯ್.
- ರೇಡಿಯೊ, ಟಿವಿ, ಅಂತರ್ಜಾಳ್ ಆನಿ ಇತರ್ ಮಾಧ್ಯಮಾಂ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಪ್ರಚಾರ್ ದೀಜಯ್.
- ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾ ವ್ಹೊವಿಯೊ ಗಾವ್ಪಿ, ಗಾವ್ಪಿಣ್ಯಾಂನಿ ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ಸಕ್ಡಾಂಕೀ ವ್ಹೊವಿಯೊ ಗಾಂವ್ಕ್ ಅವ್ಕಾಸ್ ಕರ್ನ್ ದಿಂವ್ಚೊ.
- ವ್ಹೊವಿಯೊ ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿಂಕ್ ಪುರಸ್ಕಾರ್ ದೀಜಯ್.
- ವ್ಹಡಿಲಾಂನಿ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ವ್ಹೊವಿಯೊ ಗಾಂವ್ಕ್ ಪ್ರೋತ್ಸಾಹ್ ದೀಜಯ್.

ಸವಾಲ್ 16: ಆಮ್ಚ್ಯಾ ನವ್ಯಾ ಪಿಳ್ಗೆಕ್ (ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ಆನಿ ತರ್ನಾಟ್ಯಾಂಕ್) ವ್ಹೊವಿಯೊ ವೆರ್ಸಾಚೊ ಮಹತ್ವ್ ಆನಿ ವಾಪಾರ್ ಸಮ್ಜಾಂವ್ಕ್ ಕಸಲೆಂ ಸಾಧನ್ ಕರ್ಯೆತ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾ ಸವಾಲಾಕ್ ಆಯಿಲ್ಲಿಂ ಸೂಚನಾಂ.

- ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಕ್ ಆಪವ್ನ್ ತಾಂಚೆ ಥಾವ್ನ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ಆನಿ ತರ್ನಾಟ್ಯಾಂಕ್ ವ್ಹೊವಿಯಾಂಚಿ ತರ್ಬೆತಿ ದಿವ್ಯೆತ್.
- ಕೊಂಕ್ಣಿ ಘರಾಂನಿ ಕುಟ್ಮಾಚಿಂ ಸಾಂಗಾತಾ ಮೆಳ್ತಾನಾ ವ್ಹೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚಿ ದಸ್ತುರ್ ಆರಂಭ್ ಕರಿಜಾಯ್.
- ರೇಡಿಯೊ, ಟಿವಿ, ಅಂತರ್ಜಾಳ್ ಆನಿ ಇತರ್ ಮಾಧ್ಯಮಾಂ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಪ್ರಚಾರ್ ದೀಜಯ್.
- ವ್ಹೊವಿಯಾಂವಿಶಿಂ ಮೊಬೈಲ್ ಆ್ಯಪ್, ಸಿಡಿ, ಡಿವಿಡಿ ತಯಾರ್ ಕರ್ಚೆಂ.
- ಇಸ್ಕೊಲಾಂಚ್ಯಾ ಪಠ್ಯಕ್ರಮಾಂತ್ ವ್ಹೊವಿಯಾಂಕ್ ಅವ್ಕಾಸ್.
- ಕಾರ್ಯನಿರ್ವಾಹಕಾನ್ ಚಡಿತ್ ವಿವರಣ್ ಮಟ್ವೆಂ ಕರ್ನ್ ಆನಿ ಖೆಳ್ ಉಣೆ ಕರ್ನ್ ವ್ಹೊವಿಯಾಂಚ್ಯಾ ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಕ್ ಚಡ್ ಗಮನ್ ದೀಜಯ್.
- ಕಾರ್ಯನಿರ್ವಾಹಕಾನ್ ಗರ್ಜೆಭಾಯ್ಲೆಂ ವಿವರಣ್ ನಿಯಂತ್ರಣ್ ಕರ್ನ್ ಆನಿ ಹೆರ್ ಖೆಳ್ ಉಣೆ ಕರ್ನ್, ವ್ಹೊವಿಯಾಂಚ್ಯಾ ಸ್ಪರ್ಧ್ಯಾಂತ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂನಿ, ಯುವಜಣಾಂನಿ ಆನಿ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂನಿ ಪಾತ್ರ್ ಘೆಂವ್ಚೆಬರಿ ಕಾರ್ಯೆಂ ಮಾಂಡಿಜಾಯ್.
- ನವೆ ಆಕರ್ಷಿತ್ ತಾಳ್ ಘಡ್ಚೆ.

अध्याय १२. वोवियां संसकृतिची प्रसतूत परिगत

वोवियो रोसाच्या काऱ्याचो प्रधान वांटो. वोवियो नासताना रोसाक सोभाय ना. आज वोवियो गायतल्यांचो संखो उणो जाला. तोंडपाशी वोवियो येनांत देकून बूक पळेवन गायजे पडता. आजकाल कार्मीण मावशी, लिल्ली वोनी, कात्तुबाय आनी बात्तुबाप्पू आयल्यांत तर काऱ्यें सुरूं कऱ्यां म्हणचे दीस पावल्यात. कित्याक तांका सोडल्यार ऊरल्ल्यांक वोवियो कळीत नांत. आनीं तिंयी नातल्यार सी.डी. घालन संगीत कोवळेंनी रेकार्ड जाल्ल्यो वोवियो आयकुंचें निर्भागपण आमचें.

होकले/नोवऱ्याचे गूण गायन कर्न, तांची पोक्रिपणाची चरित्रा सांगून, कुटमाचा मंतनाची व्हडवीक उचार्न, तांच्या मुकल्या काजारी जिविताक मार्गदर्शन दिंवचें वोवियांचो मूळ उद्देश. पूण असल्ये अपुरबायेच्या काऱ्यांत कोण पूणयी एक किडो आसता. आपणाची सवय आनी बुद्वंत्काय दाकोंवच्याक मायक्रोफोन वोडन काणघेवन, कोण आसात कोण नांत म्हण पर्वा करिनासताना अपलें म्हेळें तोंड उगडतच, सराग व्हाळुंक सुरू जातात ताळमूळ नातलल्यो पोजड्यो वोवियो. थोडेकडेन त्यो इतल्या कीळ मट्टाच्यो म्हळ्यार जम्लल्या सगळ्यानीं तकली पंदाक घाल्च्याक अनिवाऱ्य जाता. पावनातल्ल्याक तुळू भाशेन आशें तशें सांग्तात म्हण मसकीरयो? करून आमकांच आमी हल्क कर्न घेतांव. (अधार: कीरयां?तलीं किर्णां – मनोज फेर्नांडीस – मार्च २०१८ – पान संखो २८)

कोड्याळ कोंकणी क्रिसतांवांचीं आजकाल्चीं काजारां पारंपरीक रिती-रिवाजेंक मोडून, देशीय व प्रादेशीक संपरदायेंक सोडन, धर्माच्या तशें भक्तेच्या श्रद्धेंक सांडून, आचार-विचारांक तांडून अर्थावीण जाल्यांत. यांत्रीक तशें नाटकीय जावन गेल्यांत. पर्देशी आनी आमच्या संसकृते भायलीं जावन आयल्यांत. मंगळुर्च्या लोकाची संसकृती नवीच जावन रूपीत जायित्त आयल्या. पयलें रोसा काऱ्याक गुमटां व्हाजंवचीं, ब्रासबेंडा संगीं पदां गावन नाच्चें, रोस पुसचे पयलें मागणें म्हणून क्रिसती भावाडत जिवो दवर्चें केनरा कोंकणी क्रिसतांवांक रिवाज जावन आयिल्ली. आज काल गुमटां दिसानांत तरी थोडे कडेन ब्रास बेंड आसता. डी.जे.य तर्ने पिळगेक रात भर नाचोन मजा मारुंक कुमोक कर्ता. काजारा दिसा ओप्सून दिताना आदीं सांपरादायीक थरान वोवियो वेर्स म्हणोन होकलेक ओप्सून दितालीं. पूण आजकाल भाड्याच्या संगीत पंगडाद्वारीं आधुनीक संगीत आनी नाचाक चड प्रामुख्यता दिल्या. वोवियांनी आटापललो गुंडायेचो आर्थ आधुनीक कोंकणी लोक नेणां वा जाणां जावंक तयार ना. (अधार: कोंकणी क्रिसतांव काजारां – हेरोल्पियूस – पान संखो २४-२७)

ಅಧ್ಯಾಯ್ 12. ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚಿ ಪ್ರಸ್ತುತ್ ಪರಿಗತ್

ವೊವಿಯೊ ರೊಸಾಚ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಾಚೊ ಪ್ರಧಾನ್ ವಾಂಟೊ. ವೊವಿಯೊ ನಾಸ್ತಾನಾ ರೊಸಾಕ್ ಸೊಭಾಯ್ ನಾ. ಆಜ್ ವೊಪಿಯೊ ಗಾಯ್ತಲ್ಯಾಂಚೊ ಸಂಖೊ ಉಣೊ ಜಾಲಾ. ಹೊಂಡ್ಡಾಶಿ ವೊಪಿಯೊ ಯೆನಾಂತ್ ದೆಕುನ್ ಬೂಕ್ ಪಳೆವ್ನ್ ಗಾಯ್ಚೆ ಪಡ್ತಾ. ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ಫಿರ್ಮಿಣ್ ಮಾಪ್ತಿ, ಲಿಲ್ಲಿ ವೊನಿ, ಕಾತುಬಾಯ್ ಆನಿ ಜಾತುಬಾಪ್ತು ಆಯ್ಲ್ಯಾಂತ್ ತರ್ ಕಾರ್ಯೆಂ ಸುರುಂ ಕರ್ಯಾಂ ಮ್ಹಣ್ಜೆ ದೀಸ್ ಪಾವ್ಲ್ಯಾತ್. ಕಿತ್ಯಾಕ್ ತಾಂಕಾ ಸೊಡ್ಲ್ಯಾರ್ ಉರ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಂಕ್ ವೊವಿಯೊ ಕಳಿತ್ ನಾಂತ್. ಆನಿಂ ತಿಂಯೀ ನಾತ್ಲ್ಯಾರ್ ಸಿ.ಡಿ. ಫಾಲ್ಸ್ ಸಂಗೀತ್ ಕೊವ್ಳೆಂನಿ ರೆಕಾರ್ಡ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ ಆಯ್ಕುಂಚೆಂ ನಿರ್ಭಾಗ್‌ಪಣ್ ಆಮ್ಚೆಂ.

ಹೊಕ್ಲೆ/ನೊವ್ರ್ಯಾಚೆ ಗೂಣ್ ಗಾಯನ್ ಕರ್ನ್, ತಾಂಚೆ ವೊಕ್ತಿಪಣಾಚೆ ಚರಿತ್ರ ಸಾಂಗುನ್, ಕುಟ್ಮಾಚಾ ಮಂತನಾಚಿ ವಡ್ವಿಕ್ ಉಚಾರ್ನ್, ತಾಂಚ್ಯಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಕಾಜಾರಿ ಜಿಪಿತಾಕ್ ಮಾರ್ಗದರ್ಶನ್ ದಿಂವ್ಚೆಂ ವೊಪಿಯಾಂಚೊ ಮೂಳ್ ಉದ್ದೇಶ್. ಪೂಣ್ ಅಸಲ್ಯಾ ಅಪುರ್ಬಾಯೆಚ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಾಂತ್ ಕೊಣ್ ಪುಣ್‌ಯಿ ಏಕ್ ಕಿಡೊ ಆಸ್ತಾ. ಆಪ್ಲಾಚಿ ಸವಯ್ ಆನಿ ಬುದ್ವಂತ್ಕಾಯ್ ದಾಕೊಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ಮಾಯ್ಕ್ರೊಫೋನ್ ವೋಡ್ನ್ ಕಾಣ್ಘೆವ್ನ್, ಕೊಣ್ ಆಸಾತ್ ಕೊಣ್ ನಾಂತ್ ಮ್ಹಣ್ ಪರ್ವಾ ಕರಿನಾಸ್ತಾನಾ ಅಪ್ಲೆಂ ಮ್ಹಳೆಂ ತೊಂಡ್ ಉಗಡ್ತಚ್, ಸರಾಗ್ ವ್ಹಾಳುಂಕ್ ಸುರು ಜಾತಾತ್ ತಾಳ್‌ಮೂಳ್ ನಾತ್ಲಲ್ಯೊ ಪೊಜ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ. ಘೊಡೆಕಡೆನ್ ತ್ಯೊ ಇತ್ಲ್ಯಾ ಕೀಳ್ ಮಟ್ಟಾಚ್ಯೊ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಜಮ್ಲೆಲ್ಯಾ ಸಗ್ಳ್ಯಾನಿಂ ತಕ್ಲಿ ಪಂದಾಕ್ ಘಾಲ್ಚ್ಯಾಕ್ ಅನಿವಾರ್ಯ್ ಜಾತಾ. ಪಾವನಾತ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಕ್ ತುಳು ಭಾಶೆನ್ ಆಶೆಂ ತಶೆಂ ಸಾಂಗ್ತಾತ್ ಮ್ಹಣ್ ಮಸ್ಕಿರ್ಯೊ ಕರುನ್ ಆಮ್ಕಾಂಚ್ ಆಮಿ ಹಲ್ಕ್ ಕರ್ನ್ ಘೆತಾಂವ್. (ಅಧಾರ್: ಕಿರ್ಯಾಂತ್ಲಿಂ ಕಿರ್ಣಾಂ – ಮನೋಜ್ ಫೆರ್ನಾಂಡಿಸ್ – ಮಾರ್ಚ್ 2018 – ಪಾನ್ ಸಂಖೊ 28)

ಕೊಡ್ಯಾಳ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವಾಂಚಿಂ ಆಜ್‌ಕಾಲ್ಚಿಂ ಕಾಜಾರಾಂ ಪಾರಂಪರಿಕ್ ರಿತಿ-ರಿವಾಜೆಂಕ್ ಮೊಡುನ್, ದೇಶೀಯ್ ವ ಪ್ರಾದೇಶಿಕ್ ಸಂಪ್ರದಾಯೆಂಕ್ ಸೊಡ್ನ್, ಧರ್ಮಾಚ್ಯಾ ತಶೆಂ ಭಕ್ತೆಚ್ಯಾ ಶ್ರದ್ಧೆಂಕ್ ಸಾಂಡುನ್, ಆಚಾರ್-ವಿಚಾರಾಂಕ್ ತಾಂಡುನ್ ಅರ್ಥಾವಿಣ್ ಜಾಲ್ಯಾಂತ್. ಯಾಂತ್ರಿಕ್ ತಶೆಂ ನಾಟಕೀಯ್ ಜಾವ್ನ್ ಗೆಲ್ಯಾಂತ್. ಪರ್ದೆಶಿ ಆನಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಸಂಸ್ಕೃತೆ ಭಾಯ್ಲಿಂ ಜಾವ್ನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಮಂಗ್ಳುರ್ಚ್ಯಾ ಲೊಕಾಚಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ನಪೈಚ್ ಜಾವ್ನ್ ರೂಪಿತ್ ಜಾಯಿತ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾ. ಪಯ್ಲೆಂ ರೊಸಾ ಕಾರ್ಯಾಕ್ ಗುಮ್ಟಾಂ ವ್ಹಾಜಂವ್ಚಿಂ, ಬ್ರಾಸ್‌ಬೇಂಡಾ ಸಂಗಿಂ ಪದಾಂ ಗಾವ್ನ್ ನಾಚ್ಚೆಂ, ರೋಸ್ ಪ್ರುಸ್ಣೆ ಪಯ್ಲೆಂ ಮಾಗ್ಲೆಂ ಮ್ಹಣುನ್ ಕಿತ್ಲೀ ಭಾವಾಡ್ತ್ ಜಿವೊ ದವರ್ಚೆಂ ಕೆನರಾ ಕೊಂಕಣಿ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವಾಂಕ್ ರಿವಾಜ್ ಜಾವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲಿ. ಆಜ್ ಕಾಲ್ ಗುಮ್ಟಾಂ ದಿಸಾನಾಂತ್ ತರೀ ಘೊಡೆ ಕಡೆನ್ ಬ್ರಾಸ್ ಬೇಂಡ್ ಆಸ್ತಾ. ಡಿ.ಜೆ.ಯ್ ತರ್ನೆ ಪಿಳ್ಗೆಕ್ ರಾತ್ ಭರ್ ನಾಚೊನ್ ಮಜಾ ಮಾರುಂಕ್ ಕುಮೊಕ್ ಕರ್ತಾ. ಕಾಜಾರಾ ದಿಸಾ ಒಪ್ಸುನ್ ದಿತಾನಾ ಆದಿಂ ಸಾಂಪ್ರದಾಯಿಕ್ ಥರಾನ್ ವೊಪಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ಮ್ಹಣೊನ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ಒಪ್ಸುನ್ ದಿತಾಲಿಂ. ಪುಣ್ ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ಭಾಡ್ಯಾಚ್ಯಾ ಸಂಗೀತ್ ಪಂಗ್ಡಾದ್ವಾರಿಂ ಆಧುನಿಕ್ ಸಂಗೀತ್ ಆನಿ ನಾಚಾಕ್ ಚಡ್ ಪ್ರಾಮುಖ್ಯತಾ ದಿಲ್ಯಾ. ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಆಟಾಪ್ಲೆಲೊ ಗುಂಡಾಯೆಚೊ ಅರ್ಥ್ ಆಧುನಿಕ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೋಕ್ ನೆಣಾಂ ವಾ ಜಾಣಾಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ತಯಾರ್ ನಾ. (ಅಧಾರ್: ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಕಾಜಾರಾಂ – ಹೆರೊಲ್ಡಿಯುಸ್ – ಪಾನ್ ಸಂಖೊ 24-27)

आजकाल वेळाच्या, जाग्याच्या आभावान आनी जायत्या हेर कारणांक लागोन काऱ्यीं उणीं जाल्यांत. काऱ्यांची आवदी मटवी जाल्या आनी काऱ्यीं सालांनी या होलांनी चल्तात. आनी काऱ्यें निर्वाहक सगळ्या सत्तेन सगळें काऱ्यें एकलोच चलवन व्हर्ता. आनी ऊरल्ले सक्कड ताणें सांगल्लेबरी कर्तात या मूकप्रेक्षक जावन ऊरतालत. वोवियो आनी वेर्स आमच्या संसकृतिची आनी समुदायाची अस्मिताय उकलन दाकंवचें एक माध्यम. पूण आजकाल्च्या स्पर्धात्मक, आधुनीक तशें वेगाच्या काळार काजाराचें साल, काऱ्यें निवाऱ्हक, केटरिंग, संगीत पंगड हें सक्कड पयशे दीवन कंत्राटाच्या लेकार कर्ताना वोवियांचें संदर्भ मायाग जाल्यात. वोवियो म्हणतेल्यांचीं तोंडां बंद पडल्यांत. वोवियो म्हणचें आदलें फ्याशन म्हळ्ळें चिंताप घुसलां. आनी अर्थाभरीत वोवियांच्या जाग्यार अर्थ नातल्लीं, उबगण हाडंवचीं आचरणां भितर रिगल्यांत. आशें आमच्या संसकृतेची आस्मिताय बण ऊबल्ल्या वसतुराबरी रंगावीण जाल्या.

आमचे मधें प्रत्येक जावन श्हेरांतल्या स्त्रीयां थैं एका थराचो मनोभाव दिसोन येता. वोवियो म्हणचें गांवचांनी या हळ्ळेचांनीं. आमचे तसल्यां ग्रेसत आनी शिकप्यांनी वोवियो म्हळ्यार आमकां पळेतेलीं कितें म्हणतीत? आमचा अंतसताक या मट्टाक वोवियो म्हणचें समा पडाना. सक्कड सोडन आमी इतलीं बिझी आसताना ह्या वोवियांची गर्ज तरी कोणाक आसा? असलें चिंताप सवकास हळ्ळेंनी विसतार्चें दिसोन येता. हांतूं आमकां आमच्या संसकृते थैं आसच्या अभिमानाचें मट्ट दिसोन येता.

परिस्थिती थोडेकडे आशी आसा तरी, थोडेकडे वोवियो म्हणतेल्यांक भारी खायस आसचो पळेवंक मेळता. थोडिंच वोवियो म्हणतेलीं आसात देकून रोस, काजार जाल्यार तांकांच पयलें सांगोन दवर्तात. हो एक समाधानेचो अंश तरी हांचे उपरांत वोवियांची नकलां कर्तात. वोवियो म्हणोंक तर्नाटीं कोणी मुखार येनांत. प्रायवंतां थोडीं वोवियो म्हणतात तरी जाप दितेलीं दिसानांत.

आयच्या काळार काजार म्हळ्यार होकलेक नोवऱ्याक उल्लासून जेवाण कर्न वेचें एक काऱ्यें जावंक पावलां. आमच्या संसकृतेचेर भायल्या आचरणांचो प्रभाव पडला. परिस्थिती आशी आसा म्हणताना आमकां आमच्या संसकृतेच्या मुळाकच कुराड दवरल्लो अनबोग जाता. ह्या परिस्थितेंती समाधानेची एक गजाल म्हळ्यार ह्या दिसांनी रोसाच्या काऱ्यांत जायतेकडे आदली रीत रिवाज सांबाळचें, बेंडा–व्हाजपान गद्दाळायेन काऱ्यें चलोंवचें परत दिसोन येता.

आयच्या रोसा माटवांनी वोवियो तोंडपाट येनातल्लीं थोडीं कागदाचेर बरवन हाडतात व बूक घेवन वाचतात. एक वोवी गायतेलेन दोदोन पावटीं म्हणुंक आसता

ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ವೆಳಾಚ್ಯಾ, ಜಾಗ್ಯಾಚ್ಯಾ ಆಭಾವಾನ್ ಆನಿ ಜಾಯ್ತ್ಯಾ ಹೆರ್ ಕಾರಣಾಂಕ್
ಾಗೊನ್ ಕಾಯ್ರಿಂ ಉಣಿಂ ಜಾಲ್ಯಾಂತ್. ಕಾರ್ಯಾಂಚಿ ಆವ್ಧಿ ಮಟ್ವಿ ಜಾಲ್ಯಾ ಆನಿ ಕಾರ್ಯಿಂ
ಾಲಾಂನಿ ಯಾ ಹೊಲಾಂನಿ ಚಲ್ತಾತ್. ಆನಿ ಕಾರ್ಯೆಂ ನಿರ್ವಾಹಕ್ ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಸಕ್ತೆನ್
ಸಗ್ಳೆಂ ಕಾರ್ಯೆಂ ಎಕ್ಲೊಚ್ ಚಲವ್ನ್ ವ್ಹರ್ತಾ. ಆನಿ ಉರ್‌ಲ್ಲೆ ಸಕ್ಕಡ್ ತಾಣೆಂ ಸಾಂಗ್‌ಲ್ಲೆಬರಿ
ರ್ತಾತ್ ಯಾ ಮೂಕ್‌ಪ್ರೇಕ್ಷಕ್ ಜಾವ್ನ್ ಉರ್ತಾತ್. ವೊಪಿಯೊ ಆನಿ ವೇರ್ಸ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ
ಸಂಸ್ಕೃತಿಚಿ ಆನಿ ಸಮುದಾಯಾಚಿ ಅಸ್ಮಿತಾಯ್ ಉಕಲ್ನ್ ದಾಕಂವ್ಚೆಂ ಏಕ್ ಮಾಧ್ಯಮ್.
ಪುಣ್ ಆಜ್‌ಕಾಲ್ಚ್ಯಾ ಸ್ಪರ್ಧಾತ್ಮಕ್, ಆಧುನಿಕ್ ತಶೆಂ ವೆಗಾಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಕಾಜಾರಾಚೆಂ
ಾಲ್, ಕಾರ್ಯೆಂ ನಿರ್ವಾಹಕ್, ಕೇಟರಿಂಗ್, ಸಂಗೀತ್ ಪಂಗಡ್ ಹೆಂ ಸಕ್ಕಡ್ ಪಯ್ಶೆ ದೀವ್ನ್
ಕಂತ್ರಾಟಾಚ್ಯಾ ಲೆಕಾರ್ ಕರ್ತಾನಾ ವೊವಿಯಾಂಚೆಂ ಸಂದರ್ಭ್ ಮಾಯಾಗ್ ಜಾಲ್ಯಾತ್.
ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹುಣ್ತೆಲ್ಯಾಂಚಿಂ ತೊಂಡಾಂ ಬಂದ್ ಪಡ್ಲ್ಯಾಂತ್. ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹುಣ್ಚೆಂ ಆದ್ಲೆಂ
ಫ್ಯಾಶನ್ ಮ್ಹಳ್ಳೆಂ ಚಿಂತಾಪ್ ಘುಸ್ಲಾಂ. ಆನಿ ಅರ್ಥಾಭರಿತ್ ವೊಪಿಯಾಂಚ್ಯಾ ಜಾಗ್ಯಾರ್
ಅರ್ಥ್ ನಾತ್‌ಲ್ಲಿಂ, ಉಬ್ಗಣ್ ಹಾಡಂಪ್ಚಿಂ ಆಚರಣಾಂ ಭಿತರ್ ರಿಗ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಅಶೆಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ
ಸಂಸ್ಕೃತೆಚಿ ಆಸ್ಮಿತಾಯ್ ಬಣ್ ಉಬ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವಸ್ತುರಾಬರಿ ರಂಗಾಪೇಣ್ ಜಾಲ್ಯಾ.

ಆಮ್ಚೆ ಮಧೆಂ ಪ್ರತ್ಯೇಕ್ ಜಾವ್ನ್ ಶ್ಹೆರಾಂತ್ಲ್ಯಾ ಸ್ತ್ರೀಯಾಂ ಥೈಂ ಎಕಾ ಥರಾಚೊ
ಮನೋಭಾವ್ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾ. ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹುಣ್ಚೆಂ ಗಾಂವ್ಚ್ಯಾಂನಿ ಯಾ ಹಳ್ಳಿಚಾಂನಿಂ.
ಆಮ್ಚಿ ತಸಲ್ಯಾಂ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ಆನಿ ಶಿಕ್ಲ್ಯಾಂನಿ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಪಳೆತೆಲಿಂ ಕಿತೆಂ
ಮ್ಹುಣ್ತೆತ್? ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಅಂತಸ್ತಾಕ್ ಯಾ ಮಟ್ಟಾಕ್ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹುಣ್ಚೆಂ ಸಮಾ ಪಡಾನಾ. ಸಕ್ಕಡ್
ಸೊಡ್ನ್ ಆಮಿ ಇತ್ಲಿಂ ಜಿಝಿ ಆಸ್ತಾನಾ ಹ್ಯಾ ವೊಪಿಯಾಂಚಿ ಗರ್ಜ್ ತರೀ ಕೊಣಾಕ್ ಆಸಾ?
ಅಸಲೆಂ ಚಿಂತಾಪ್ ಸವ್ಕಾಸ್ ಹಳ್ಳೆಂನಿ ಪಿಸ್ತಾರ್ಚೆಂ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾ. ಹಾಂತುಂ ಆಮ್ಕಾಂ
ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಸಂಸ್ಕೃತೆ ಥೈಂ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ಅಭಿಮಾನಾಚೆಂ ಮಟ್ಟ್ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾ.

ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಥೊಡೆಕಡೆ ಅಶಿ ಆಸಾ ತರೀ, ಥೊಡೆಕಡೆ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹುಣ್ತೆಲ್ಯಾಂಕ್ ಭಾರಿ
ಖಾಯ್ಸ್ ಆಸ್ಚೊ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಮೆಳ್ತಾ. ಥೊಡಿಂಚ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹುಣ್ತಲಿಂ ಆಸಾತ್ ದೆಕುನ್
ರೋಸ್, ಕಾಜಾರ್ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ತಾಂಕಾಂಚ್ ಪಯ್ಲೆಂ ಸಾಂಗೊನ್ ದವರ್ತಾತ್. ಹೊ ಏಕ್
ಸಮಾಧಾನೆಚೊ ಅಂಶ್ ತರೀ ಹಾಂಚೆ ಉಪ್ರಾಂತ್ ವೊಪಿಯಾಂಚಿ ನಕ್ಲಾಂ ಕರ್ತಾತ್.
ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹುಣೊಂಕ್ ತರ್ನಾಟಂ ಕೊಣೀ ಮುಖಾರ್ ಯೇನಾಂತ್. ಪ್ರಾಯ್ಸ್ತಾಂ
ಥೊಡಿಂ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹುಣ್ತಾತ್ ತರೀ ಜಾಪ್ ದಿತೆಲಿಂ ದಿಸಾನಾಂತ್.

ಆಯ್ಚ್ಯಾ ಕಾಳಾರ್ ಕಾಜಾರ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ನೊವ್ರ್ಯಾಕ್ ಉಲ್ಲಾಸುನ್ ಜೆವಾಣ್
ಕರ್ನ್ ವೆಚೆಂ ಏಕ್ ಕಾರ್ಯೆಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪಾವ್ಲಾಂ. ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚೆರ್ ಭಾಯ್ಲ್ಯಾ
ಆಚರಣಾಂಚೊ ಪ್ರಭಾವ್ ಪಡ್ಲಾ. ಪರಿಸ್ಥಿತಿ ಆಶಿ ಆಸಾ ಮ್ಹುಣ್ತಾನಾ ಆಮ್ಕಾಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ
ಸಂಸ್ಕೃತೆಚ್ಯಾ ಮುಳಾಕ್‌ಚ್ ಕುರಾಡ್ ದವರ್‌ಲ್ಲೊ ಅನ್ಭೋಗ್ ಜಾತಾ. ಹ್ಯಾ ಪರಿಸ್ಥಿತೆಂತ್ಲೀ
ಸಮಾಧಾನೆಚಿ ಏಕ್ ಗಜಾಲ್ ಮ್ಹಳ್ಯಾರ್ ಹ್ಯಾ ದಿಸಾಂನಿ ರೊಸಾಚ್ಯಾ ಕಾರ್ಯಾಂತ್
ಜಾಯ್ತೆಕಡೆ ಆದ್ಲಿ ರೀತ್ ರಿವಾಜ್ ಸಾಂಬಾಳ್ಚೆಂ, ಬೆಂಡಾ-ವ್ಹಾಜ್ಯಾನ್ ಗದ್ಚಾಳಾಯೆನ್ ಕಾರ್ಯೆಂ
ಚಲೊಂವ್ಚೆಂ ಪರತ್ ದಿಸೊನ್ ಯೆತಾ.

ಆಯ್ಚ್ಯಾ ರೊಸಾ ಮಾಟ್ವಾಂನಿ ವೊಪಿಯೊ ತೋಂಡ್‌ಪಾಟ್ ಯೇನಾತ್‌ಲ್ಲಿಂ ಥೊಡಿಂ
ಕಾಗ್ದಾಚೆರ್ ಬರವ್ನ್ ಹಾಡ್ತಾತ್ ವ ಬೂಕ್ ಘೆವ್ನ್ ವಾಚ್ತಾತ್. ಏಕ್ ವೊಪಿ ಗಾಯ್ತೆಲೆನ್

आनी हेरांनी ती अर्ध्या थावन गावंक आसता. पूण एकलेन म्हळ्ळेले वोवियेक जाप दीवंक मात्र हेरांक तोंडांत आवाळे आडायतात. आजकालच्या रोसा काऱ्यांनी मैक आसता जाल्ल्यान कोणी एका-दोगांच्या हातीं तें मेळता आनी मैका खातीर पंताट चल्चो आसता. त्या मधें थोडे पाडारी मैक वोडन घेवन 'बप्पर' उत्रांच्यो अपणेंच घडल्ल्यो वोवियो(?) म्हणून 'जण' जातात तेदनां त्यो पोजड्यो उत्रांवळी आयकाल्लो लोक मुस्मुसो हासून म्हळ्ळेल्याची मऱ्याद तीन तागड्यांचेर तुक्ता! च्यार कासांक विक्ता!! मैक हातीं मेळल्ली स्त्री अपुण्ंच लता मंगेश्कर जावन हेरांक मायक दीनाशें वीस-तीस वोवियो म्हणुंक वोद्दाडताना दुस्री एकली सुरय्या खंय थावन पुणी अन्येक मायक हाडवन वोवियो म्हणुंक वद्दाडता आनी एकली अपूण आशा भोंसले जावंक पेचाडचें आसा. पूण हीं मात्र हेरांनी म्हळ्ळ्या वोवियेक जाप दीनांत. हाजर आसल्ले केदाळा देवा ह्या कोगुळेंचो पंताट संपात आनी रंगाळ ग्लास वांटून येतीत म्हण राकोन थक्तात. थोडेकडेन वोवियो म्हणुंक स्त्रीयो मुकार येनांत व आयल्यारी म्हणोंक कळीत नासतां/पुटवानासतां मोनी रावतात तेदनां काऱ्यानिर्वाहकान्ंच वोवियो म्हणाजे पडतात. (अधार: भायल्यान आयलो व्होर - श्रीमती ऐरीन रेबेल्लो)

पयलेंच्या दिसांनी वोवियो म्हणतेल्यो स्त्रीयो, होकलेक व नवऱ्याक फूड करून रावताल्यो आनी होकले व नवऱ्याचे मावळे, बापले तशें हेर दादले पाटल्यान दिंडे मानाय जावन उबे आसताले. वोवियांक जापयी दिताले तशें खूद दोन-च्यार वोवियो म्हणताले. आजकाल विडियो काडतेले होकले-नवऱ्याच्या आवयक मात्र मुकार फूड करून रावयतात आनी हेरां सर्वांक पाटल्यान उबे करून फोटो काडयतात. पंद्रा वीस जणां रावल्यारी वोवियो म्हणचीं आनी जाप दिंवचीं दोगां-चवगां मात्र.

आयच्या माटवांनी वोवियो गायतलीं उणीं जावन आयल्यांत. सबारांक त्यो आवडनांत, बदलाक आधुनीक पदां व नाच चड पसंद कर्तात. भोवच आर्थाभरीत रोसा काऱ्यें पोजड्या वोवियांनी आनी आशलील पदांनी गलीज करून घालां. वोवियांक आयच्या थोड्या तर्नाट्यांनी आपलिंच उत्रां बसवन गावन काऱ्यांची मऱ्याद काडुंक सुरू केलां. वोवियांनी आटापललो गुंडायेचो आर्थ आयचो कोंकणी लोक नेणा जाला व जाणां जावंक तयार ना जाला.

मालघड्यां थावन आमकां लाभल्लें हें दायज अतां संसकृतेच्या नांवातेकीद मात्र चलोवन वर्चें आमकां दिसता. ही प्रसतूत परिगत वोवियो म्हळ्ळ्या कोंकणी लोकवेद आनी कोंकणी संसकृतिच्या मूळ चिंत्पाक आनी उद्देशाक विरोध वेता.

ಸೊದೋನ್ ಪಾವ್ಚಿಂ ಮ್ಹುಣುಂಕ್ ಆಸ್ತಾ ಆನಿ ಹೆರಾಂನಿ ತಿ ಅರ್ಥ್ಯಾ ಥಾವ್ನ್ ಗಾಂವ್ಕ್ ಅಸ್ತಾ.ಪೂಣ್ ಎಕ್ಲೆನ್ ಮ್ಹುಳ್ಳೆಲಿ ವೊವಿಯೆಕ್ ಜಾಪ್ ದೀಂವ್ಕ್ ಮಾತ್ರ್ ಹೆರಾಂಕ್ ತೊಂಡಾಂತ್ ತವಾಳೆ ಆಡಾಯ್ತಾತ್. ಆಜ್‌ಕಾಲ್‌ಚ್ಯಾ ರೊಸಾ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ಮ್ಹೃಕ್ ಆಸ್ತಾ ಜಾಲ್ಯಾನ್ ಸೊಣೀ ಎಕಾ-ದೊಗಾಂಚ್ಯಾ ಹಾತಿಂ ತೆಂ ಮೆಳ್ತಾ ಆನಿ ಮ್ಹೃಕಾ ಖಾತಿರ್ ಪಂತಾಟ್ ಚಲ್ತೊ ಅಸ್ತಾ. ತ್ಯಾ ಮಧೆಂ ಥೊಡೆ ಪಾಡಾರಿ ಮ್ಹೃಕ್ ವೊಡ್ನ್ ಫೆವ್ನ್ 'ಬಪ್ಪುರ್' ಉತ್ರಾಂಚ್ಯೊ ಅಪ್ಲೆಂಚ್ ಘಡ್‌ಲ್ಯೊ, ವೊವಿಯೊ(?) ಮ್ಹುಣುನ್ 'ಜಣ್' ಜಾತಾತ್ ತೆದ್ನಾಂ ತ್ಯೊ ಪೊಜ್ಯೊ ಉತ್ರಾಂವಳಿ ಆಯ್ಕಾಲ್ಲೊ ಲೋಕ್ ಮುಸ್ಮುಸೊ ಹಾಸುನ್ ಮ್ಹುಳ್ಳೆಲ್ಯಾಚಿ ಮರ್ಯಾದ್ ತೀನ್ ಶಾಗ್ಗ್ಯಾಂಚೆರ್ ತುಕ್ತಾ! ಚ್ಯಾರ್ ಕಾಸಾಂಕ್ ವಿಕ್ತಾ!! ಮ್ಹೃಕ್ ಹಾತಿಂ ಮೆಳ್‌ಲ್ಲಿ ಸ್ತ್ರೀ ಅಪ್ರುಣ್‌ಂಚ್ ಲತಾ ಮಂಗೇಶ್ಕರ್ ಜಾವ್ನ್ ಹೆರಾಂಕ್ ಮಾಯ್ಕ್ ದೀನಾಶೆಂ ವೀಸ್-ತೀಸ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹುಣುಂಕ್ ವೊದ್ದಾಡ್ತಾನಾ ದುಸ್ರಿ ಎಕ್ಲಿ ಸುರಯ್ಯಾ ಖಿಂಯ್ ಥಾವ್ನ್ ಪ್ರಣೀ ಅನ್ಸ್ರೇಕ್ ಮಾಯ್ಕ್ ಹಾಡವ್ನ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹುಣುಂಕ್ ವದ್ದಾಡ್ತಾ ಆನಿ ಎಕ್ಲಿ ಅಪ್ರುಣ್ ಅಶಾ ಘೊಂಸ್ಲೆ ಜಾಂವ್ಕ್ ಪೆಚಾಡ್ತೆಂ ಆಸಾ. ಪೂಣ್ ಹಿಂ ಮಾತ್ರ್ ಹೆರಾಂನಿ ಮ್ಹುಳ್ಳ್ಯಾ ವೊವಿಯೆಕ್ ಜಾಪ್ ದೀನಾಂತ್. ಹಾಜರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆ ಕೆದಾಳಾ ದೆವಾ ಹ್ಯಾ ಕೊಗುಳೆಂಚೊ ಪಂತಾಟ್ ಸಂಪಾತ್ ಆನಿ ರಂಗಾಳ್ ಗ್ಲಾಸ್ ವಾಂಟುನ್ ಯೆತಿತ್ ಮ್ಹುಣ್ ರಾಕೊನ್ ಥಕ್ತಾತ್. ಥೊಡೆಕಡೆನ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹುಣುಂಕ್ ಸ್ತ್ರೀಯೊ ಮುಕಾರ್ ಯೇನಾಂತ್ ವ ಆಯ್ಲ್ಯಾರೀ ಮ್ಹುಣೊಂಕ್ ಕಳಿತ್ ನಾಸ್ತಾಂ/ಪ್ರುಟ್ನಾನಾಸ್ತಾಂ ಮೊನಿ ರಾವ್ತಾತ್ ತೆದ್ನಾಂ ಕಾರ್ಯಾನಿರ್ವಾಹಕಾನ್‌ಂಚ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹುಣ್ಣಾಜೆ ಪಡ್ತಾತ್. (ಅಧಾರ್: ಭಾಯ್ಲ್ಯಾನ್ ಆಯ್ಲೊ ವ್ಹೊರ್ - ಶ್ರೀಮತಿ ಐರಿನ್ ರೆಬೆಲ್ಲೊ)

ಪಯ್ಲೆಂಚ್ಯಾ ದಿಸಾಂನಿ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಲ್ಯೊ ಸ್ತ್ರೀಯೊ. ಹೊಕ್ಲೆಕ್ ವ ನವ್ರ್ಯಾಕ್ ಫುಡ್ ಕರುನ್ ರಾವ್ತಾಲ್ಯೊ ಆನಿ ಹೊಕ್ಲೆ ವ ನವ್ರ್ಯಾಚೆ ಮೊಮ್ವೆ. ಬಾಪ್ಲೆ ತಶೆಂ ಹೆರ್ ದಾದ್ಲೆ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ದಿಂಡೆ ಮಾನಾಯ್ ಜಾವ್ನ್ ಉಬೆ ಆಸ್ತಾಲೆ. ವೊವಿಯಾಂಕ್ ಜಾಪ್‌ಯಿ ದಿತಾಲೆ ತಶೆಂ ಖುದ್ ದೋನ್-ಚ್ಯಾರ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾಲೆ. ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ವಿಡಿಯೊ ಕಾಡ್ತೆಲೆ ಹೊಕ್ಲೆ-ನವ್ರ್ಯಾಚ್ಯಾ ಆವಯ್ಕ್ ಮಾತ್ರ್ ಮುಕಾರ್ ಫುಡ್ ಕರುನ್ ರಾವಯ್ತಾತ್ ಆನಿ ಹೆರಾಂ ಸರ್ವಾಂಕ್ ಪಾಟ್ಲ್ಯಾನ್ ಉಬೆ ಕರುನ್ ಫೊಟೊ ಕಾಡಯ್ತಾತ್. ಪಂದ್ರಾ ವೀಸ್ ಜಣಾಂ ರಾವ್ಲ್ಯಾರಿ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚೆಂ ಆನಿ ಜಾಪ್ ದಿಂವ್ಚೆಂ ದೊಗಾಂ-ಚವ್ಗಾಂ ಮಾತ್ರ್.

ಆಯ್ಲ್ಯಾ ಮಾಟ್ವಾಂನಿ ವೊವಿಯೊ ಗಾಯ್ತುಲಿಂ ಉಣೆಂ ಜಾವ್ನ್ ಆಯ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಸಬಾರಾಂಕ್ ತ್ಯೊ ಆವಡ್ನಾಂತ್. ಬದ್ಲಾಕ್ ಆಧುನಿಕ್ ಪದಾಂ ವ ನಾಚ್ ಚಡ್ ಪಸಂದ್ ಕರ್ತಾತ್. ಘೊವ್‌ಚ್ ಅರ್ಥಾಭರಿತ್ ರೊಸಾ ಕಾರ್ಯೆಂ ಪೊಜ್ಯಾ, ವೊವಿಯಾಂನಿ ಆನಿ ಅಶ್ಲೀಲ್ ಪದಾಂನಿ ಗಲೀಜ್ ಕರುನ್ ಘಾಲಾಂ. ವೊವಿಯಾಂಕ್ ಅಯ್ಲ್ಯಾ ಥೊಡ್ಯಾ ತರ್ನಾಟ್ಯಾಂನಿ ಅಶ್ಲೀಂಚ್ ಉತ್ರಾಂ ಬಸವ್ನ್ ಗಾವ್ನ್ ಕಾರ್ಯಾಂಚಿ ಮರ್ಯಾದ್ ಕಾಡುಂಕ್ ಸುರು ಕೆಲಾಂ. ವೊವಿಯಾಂನಿ ಆಟಾಪ್ಲೆಲೊ ಗುಂಡಾಯೆಚೊ ಅರ್ಥ್ ಆಯ್ಚೊ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೋಕ್ ನೆಣಾ ಜಾಲಾ ವ ಜಾಣಾಂ ಜಾಂವ್ಕ್ ತಯಾರ್ ನಾ ಜಾಲಾ.

ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಲಾಭ್‌ಲ್ಲೆಂ ಹೆಂ ದಾಯ್ಜ್ ಅತಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚ್ಯಾ ನಾಂವಾತೆಕಿದ್ ಮಾತ್ರ್ ಚಲೊವ್ನ್ ವರ್ಚೆಂ ಆಮ್ಕಾಂ ದಿಸ್ತಾ. ಹಿ ಪ್ರಸ್ತುತ್ ಪರಿಗತ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹುಳ್ಳ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೋಕ್‌ವೇದ್ ಆನಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚ್ಯಾ ಮೂಳ್ ಚಿಂತ್ಪಾಕ್ ಆನಿ ಉದ್ದೇಶಾಕ್ ವಿರೋಧ್ ವೆತಾ.

अध्याय १३. संशोधीक सोदनां

- प्रसतूत बरपीं आसच्या वोवियांची घडावळ, उत्रांचो पुंजो, प्रासाची रीत आनी तीक्ष्ण संदेश वरवन पळयताना एक सवाल उदेताकी आमच्या मालघड्यांक असलें गिन्यान, जाणवाय, साहित्यीक गुंडाय कशी लाभलिगी म्हण.मालघड्यांनी तांच्या जिण्येचे गोड आनी कोडू अनुभव अंगांत जिरवन, मतिंत वोरवन, काळजाच्या गुंडायेंत अटवन जे कितें उत्रांनी व्यक्त केलां तें आमकां अज वोवियां साहित्यांत लाभता.

- अजून वोवियो गांवचीं आमचीं मालघडीं चड शीकल्लीं वा बुद्दंत न्हंय तरी घंत्यागाटल्यान तांच्या उगडासा भंडारा थावन वोवियो उदकाची झर वाळल्याबरी वाळतात आनी थोडीं तक्षण वोवियो घडतात आनी गायतात. हें देक्ताना कोंकणी तोंडी साहित्याचो प्रभाव आमच्या मालघड्यांचा जीवनांत कितलो आसल्लो म्हळ्ळो अंदाज जाता.

- मालघड्यांक भेटोन समजणी जोडल्या उपरांत आपणाक कळोन आयलेंकी वोवियां संपरदायाचें मूळ कोंकणी हिंदू समुदाय. हिंदू धार्मीक तशें सामाजीक कार्यांनी वोवियां- प्रकार कविते रुपार आसल्लो. क्रमेण कन्वेडतर जाल्ल्या क्रिसतांव लोकान तांका जाणां आसल्ल्या वोवियांनी हिंदू देवांचीं नांवां बदलून क्रिसतांव देवाक, मरियेक, जेजूक आनी सांतांक जागो दिलो.

- वोवियां संसकृती आजकाल फकत रोसाच्या दिसा मात्र पळेवंक मेळता. आजकाल्चीं काजाराचीं कार्यीं होलांनी चल्तात देकून वोवियो म्हणचो आवकास ना जाला. ह्या वर्वीं काजाराच्यो वोवियो आमच्या नव्या पिळगेक आयकोंक आवकासनासताना मुकल्या दिसांनी विसर पडचो आपाय आसा.

- वोवियांचो विसर पडोंक प्रमूक कारण काजाराच्या दिसा, काजाराचें साल, कार्यें नीवर्‍हण, केटरिंग, संगीत पंगड, हें सक्कड पयशे दीवन कंत्राटाच्या लेकार करून सांसकृतीक संग्तिंच्याकी चड गमन खेळ, मनोरंजनाक आमानत दवरला. वोवियांचें संदर्भ मायाग जाल्यात.

- वोवियांनी पोजडेपण रीगल्ल्यान, नितळ आर्थाभरीत वोवियो म्हणतेल्यांक लज भोगोन वोवियो म्हणोंक पाटी कर्तात.

ಅಧ್ಯಾಯ್ 13. ಸಂಶೋಧಿಕ್ ಸೊದ್ನಾಂ

ಪ್ರಸ್ತುತ್ ಬರ್ಪಿಂ ಆಸ್ಚ್ಯಾ ವೋಪಿಯಾಂಚಿ ಘಡಾವಳ್. ಉತ್ರಾಂಚೊ ಪುಂಜೊ, ಪ್ರಾಸಾಚಿ ರೀತ್ ಆನಿ ತೀಕ್ಷ್ಣ ಸಂದೇಶ್ ವರವ್ನ್ ಪಳಯ್ತಾನಾ ಏಕ್ ಸವಾಲ್ ಉದೆತಾಕೀ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಕ್ ಅಸಲೆಂ ಗಿನ್ಯಾನ್, ಜಾಣ್ವಾಯ್, ಸಾಹಿತ್ಯಿಕ್ ಗುಂಡಾಯ್ ಕಶಿ ಲಾಭ್ಲಿಗಿ ಮ್ಹುಣ್.ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂನಿ ತಾಂಚ್ಯಾ ಜಿಣ್ಯೆಚೆ ಗೋಡ್ ಆನಿ ಕೊಡು ಅನುಭವ್ ಅಂಗಾಂತ್ ಜಿರವ್ನ್, ಮತಿಂತ್ ವೊರವ್ನ್, ಕಾಳ್ಜಾಚ್ಯಾ ಗುಂಡಾಯೆಂತ್ ಅಟವ್ನ್ ಜೆ ಕಿತೆಂ ಉತ್ರಾಂನಿ ವ್ಯಕ್ತ್ ಕೆಲಾಂ ತೆಂ ಆಮ್ಕಾಂ ಅಜ್ ವೋಪಿಯಾಂ ಸಾಹಿತ್ಯಾಂತ್ ಲಾಭ್ತಾ.

ಅಜೂನ್ ವೋಪಿಯೊ ಗಾಂವ್ಚಿಂ ಆಪ್ಣಿಂ ಮಾಲ್ಘಡಿಂ ಚಡ್ ಶಿಕ್‌ಲ್ಲಿಂ ವಾ ಬುದ್ವಂತ್ ನ್ಹಂಯ್ ತರೀ ಘಂಟ್ಯಾಗಾಟ್ಯಾನ್ ತಾಂಚ್ಯಾ ಉಗ್ಡಾಸಾ ಭಂಡಾರಾ ಥಾವ್ನ್ ವೋಪಿಯೊ ಉದ್ಕಾಚಿ ಝುರ್ ವಾಳ್‌ಲ್ಲ್ಯಾಬರಿ ವಾಳ್ತಾತ್ ಆನಿ ಘೊಡಿಂ ತಕ್ಷಣ್ ವೋಪಿಯೊ ಘಡ್ತಾತ್ ಆನಿ ಗಾಯ್ತಾತ್. ಹೆಂ ದೆಕ್ತಾನಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ತೊಂಡಿ ಸಾಹಿತ್ಯಾಚೊ ಪ್ರಭಾವ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಚಾ ಜೀವನಾಂತ್ ಕಿತ್ಲೊ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಅಂದಾಜ್ ಜಾತಾ.

- ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂಕ್ ಭೆಟೊನ್ ಸಮ್ಜಣಿ ಜೊಡ್ಲ್ಯಾ ಉಪ್ರಾಂತ್ ಅಪ್ಲಾಕ್ ಕಳೊನ್ ಆಯ್ಲೆಂಕಿ ವೋಪಿಯಾಂ ಸಂಪ್ರದಾಯಾಚೆಂ ಮೂಳ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಹಿಂದು ಸಮುದಾಯ್. ಹಿಂದು ಧಾರ್ಮಿಕ್ ತಶೆಂ ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಕಾರ್ಯಾಂನಿ ವೋಪಿಯಾಂ- ಪ್ರಕಾರ್ ಕಪಿತೆ ರುಪಾರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೊ. ಕ್ರಮೇಣ್ ಕನ್ವೆರ್ತರ್ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಲೊಕಾನ್ ತಾಂಕಾ ಜಾಣಾಂ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ವೋಪಿಯಾಂನಿ ಹಿಂದು ದೆವಾಂಚಿಂ ನಾಂವಾಂ ಬದ್ಲುನ್ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ದೆವಾಕ್, ಮರಿಯೆಕ್, ಜೆಜುಕ್ ಆನಿ ಸಾಂತಾಂಕ್ ಜಾಗೊ ದಿಲೊ.
- ವೋಪಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ಫಕತ್ ರೊಸಾಚ್ಯಾ ದಿಸಾ ಮಾತ್ರ್ ಪಳೆಂವ್ಕ್ ಮೆಳ್ತಾ. ಆಜ್‌ಕಾಲ್ಚಿಂ ಕಾಜಾರಾಚಿಂ ಕಾರ್ಯಿಂ ಹೊಲಾಂನಿ ಚಲ್ತಾತ್ ದೆಕುನ್ ವೋಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚೊ ಅವ್ಕಾಸ್ ನಾ ಜಾಲಾ. ಹ್ಯಾ ವರ್ಸಿಂ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯೊ ವೋಪಿಯೊ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ನವ್ಯಾ ಪಿಳ್ಗೆಕ್ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಅವ್ಕಾಸ್‌ನಾಸ್ತಾನಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ದಿಸಾಂನಿ ಪಿಸರ್ ಪಡ್ಚೊ ಅಪಾಯ್ ಆಸಾ.
- ವೋಪಿಯಾಂಚೊ ಪಿಸರ್ ಪಡೊಂಕ್ ಪ್ರಮುಖ್ ಕಾರಣ್ ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ದಿಸಾ, ಕಾಜಾರಾಚೆಂ ಸಾಲ್, ಕಾರ್ಯೆಂ ನಿವರ್ತಣ್, ಕೇಟರಿಂಗ್, ಸಂಗೀತ್ ಪಂಗಡ್. ಹೆಂ ಸಕ್ಕಡ್ ಪಯ್ಶೆ ದೀವ್ನ್ ಕಂತ್ರಾಟಾಚ್ಯಾ ಲಿಕಾರ್ ಕರುನ್ ಸಾಂಸ್ಕೃತಿಕ್ ಸಂಗ್ತಿಂಚ್ಯಾಕಿ ಚಡ್ ಗಮನ್ ಖೆಳ್, ಮನೋರಂಜನಾಕ್ ಅಮಾನತ್ ದವರ್ಲಾಂ. ವೋಪಿಯಾಂಚೆಂ ಸಂದರ್ಭ್ ಮಾಯಾಗ್ ಜಾಲ್ಯಾತ್.
- ವೋಪಿಯಾಂನಿ ಪ್ರೊಜ್ಞೆಪಣ್ ರಿಗ್‌ಲ್ಲ್ಯಾನ್, ನಿತಳ್ ಅರ್ಥಾಭರಿತ್ ವೋಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತೆಲ್ಯಾಂಕ್ ಲಜ್ ಭೊಗೊನ್ ವೋಪಿಯೊ ಮ್ಹಣೊಂಕ್ ಪಾಟಿ ಕರ್ತಾತ್.

अध्याय १४. वोवियां संसकृतिचो फुडार

- वोवियां संसकृतेचें दायज राकोन वर्च्याक मुकल्या जनांगाक हसतांतर कर्च्याक जायतीं सूचनां लाभल्यांत. जशें रेस्पेराच्या मिसाक, फेसतांच्या मिसांक, कंताराच्यो कडतिल्यो कर्तात तशें रोसा दिसा गावंक आसच्यो वोवियो, काऱ्यें कर्च्या कुटमान पयलेंच तयार करून छापून कडतील करिजय. आनी रोसाक हाजर आसल्ल्या सर्वांनी सांगाता ताळो मेळवंक जाय. हें एक काऱ्यागत कऱ्येत तसलें सूचन.

- काजारांक वा रोसाक भुर्ग्यांक व्हडिलांनी सांगाता वरून वोवियांविशीं समजणी दीजय आनी काऱ्याक वेताना एक वा दोन वोवियो म्हणोंक तयार कर्न भुर्ग्यांकर्ना सांगयजाय. काऱ्या निर्वाहकान भुर्ग्यांक तशेंच तर्नाट्यांक वोवियो म्हणोंक आवकास कर्न दीजय आनी वोवियां वयर स्पर्धो चलवन इनाम दीजय. हें एक प्रभावीक आनी काऱ्यागत कऱ्येत आसल्लें सूचन.

- वोवियां संसकृती आनिकी चड प्रभावीत थरान मुकार वर्च्याक सर्व साहित्य आदलेंच दवरून आकरषीत ताळे घडून वोवियांक नवें रूप दिव्येत. पूण हांगा दोन थराचो वाद म्हाका आयकोंक मेळ्ळो. ताळे बदलिल्यार मूळ संसकृतेचें खाशेलेंपण ऊरता वे? कोंकणी, लोकवेद जातावे? लोकवेद तोंडी साहित्य वा संगीत. तें आसा तशें दवरुंक जाय आनी हातांतर करुंक जाय म्हळ्ळो एक वाद तर, वेळाकाळाक सरी जावन आमी संसकृतेंत बदलावण करिना जाल्यार मुकली तरनीर पिळगी हें सगळें आदलें, पर्नें, व्हडलिमांयचीं गितां म्हण सांगोन तिरसकार कर्चो संभव आसा. तवळ आमची संसकृती कोनश्याक पडतेली म्हळ्ळो अन्येक वाद.

- म्हज्या अभिपराया पर्माणें पर्नें आनी संपरदाय उरोंवच्याखातीर नवें आनी वेळाकाळाक सरी जाल्ल्या बदलावणेन मुकार गेल्यार हें दायज आमच्या मुकल्या पिळगेक उरवंक सलीस जातलें.हें दायज उरंवच्याक कितें कर्चें? इसकोलांनी तरबेती, स्पर्धे चलवन वर्चे, वोवियां संसकृती विश्यांत पथ्यक्रमांत अवकास, इगर्जांनी, युवसंघटनां मुकांत्र तरबेती, माहेत आनी जाणवाय, फिर्गज हंतार वोवियो स्पर्धे, माहेत आनी गावंक आवकास, वाड्यांत जमाती वेळार ह्या विशीं तरबेती अनी स्पर्धे, कातोलीक सभा वा यूव संघटानान दियेसेज, वाराडो, फिर्गज आनी वाड्या हंतार वोवियांचे स्पर्धे मांडून हाडचे, सामाजीक काऱ्याक्रमांनी वोवियांविशीं जागृती दीजय, क्रीसती भावाडताची सतां, वोवियां रुपीं शिकवंक प्रयतन,

ಂಧ್ಯಾಯ್ 14. ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚೊ ಫುಡಾರ್

- ವೊಪಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚೆಂ ದಾಯ್ಜ್ ರಾಕೊನ್ ವರ್ಚ್ಯಾಕ್ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಜನಾಂಗಾಕ್ ಹಸ್ತಾಂತರ್ ಕರ್ಚ್ಯಾಕ್ ಜಾಯ್ತಿಂ ಸೂಚನಾಂ ಲಾಭ್ಲ್ಯಾಂತ್. ಜಶೆಂ ರೆಸ್ತೆರಾಚ್ಯಾ ಮಿಸಾಕ್, ಫೆಸ್ತಾಂಚ್ಯಾ ಮಿಸಾಂಕ್, ಕಂತಾರಾಚ್ಯೊ ಕಡ್ತಿಲ್ಯೊ ಕರ್ತಾತ್ ತಶೆಂ ರೊಸಾ ದಿಸಾ ಗಾಂವ್ಕ್ ಆಸ್ಚ್ಯೊ ವೊಪಿಯೊ, ಕಾರ್ಯೆಂ ಕರ್ಚ್ಯಾ ಕುಟ್ಮಾನ್ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ ತಯಾರ್ ಕರುನ್ ಛಾಪುನ್ ಕಡ್ತಿಲ್ ಕರಿಜಯ್. ಆನಿ ರೊಸಾಕ್ ಹಾಜರ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಸರ್ವಾಂನಿ ಸಾಂಗಾತಾ ತಾಳೊ ಮೆಳಂವ್ಕ್ ಜಾಯ್. ಹೆಂ ಏಕ್ ಕಾರ್ಯಾಗತ್ ಕರ್ಯೆತ್ ತಸಲೆಂ ಸೂಚನ್.

- ಕಾಜಾರಾಂಕ್ ವಾ ರೊಸಾಕ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ವ್ಹಡಿಲಾಂನಿ ಸಾಂಗಾತಾ ವರುನ್ ವೊವಿಯಾಂಪಿರಿಂ ಸಮ್ಜಣಿ ದೀಜಯ್ ಆನಿ ಕಾರ್ಯಾಕ್ ವೆತಾನಾ ಏಕ್ ವಾ ದೋನ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣೊಂಕ್ ತಯಾರ್ ಕರ್ನ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕರ್ನಾ ಸಾಂಗಯ್ಜಾಯ್. ಕಾರ್ಯಾ ನಿರ್ವಾಹಕಾನ್ ಭುರ್ಗ್ಯಾಂಕ್ ತಶೆಂಚ್ ತರ್ನಾಟ್ಯಾಂಕ್ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣೊಂಕ್ ಅವ್ಕಾಸ್ ಕರ್ನ್ ದೀಜಯ್ ಆನಿ ವೊಪಿಯಾಂ ವಯ್ರ್ ಸ್ಪರ್ಧೊ ಚಲವ್ನ್ ಇನಾಮ್ ದೀಜಯ್. ಹೆಂ ಏಕ್ ಪ್ರಭಾವಿಕ್ ಆನಿ ಕಾರ್ಯಾಗತ್ ಕರ್ಯೆತ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಂ ಸೂಚನ್.

- ವೊವಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಆನಿಕೀ ಚಡ್ ಪ್ರಭಾವಿತ್ ಥರಾನ್ ಮುಕಾರ್ ವರ್ಚ್ಯಾಕ್ ಸರ್ವ್ ಸಾಹಿತ್ಯ ಆದ್ಲೆಂಚ್ ದವರುನ್ ಆಕರ್ಷಿತ್ ತಾಳೆ ಘಡುನ್ ವೊಪಿಯಾಂಕ್ ನವೆಂ ರೂಪ್ ದಿವ್ಯೆತ್. ಪುಣ್ ಹಾಂಗಾ ದೋನ್ ಥರಾಚೊ ವಾದ್ ಮ್ಹಾಕಾ ಆಯ್ಕೊಂಕ್ ಮೆಳ್ಳೊ. ತಾಳೆ ಬದ್ಲಿಲ್ಯಾರ್ ಮೂಳ್ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚೆಂ ಖಾತೆಲೆಂಪಣ್ ಉರ್ತಾವೆ? ಕೊಂಕ್ಣಿ, ಲೊಕ್‌ವೆದ್ ಜಾತಾವೆ? ಲೊಕ್‌ವೆದ್ ತೊಂಡಿ ಸಾಹಿತ್ಯ ವಾ ಸಂಗೀತ್. ತೆಂ ಆಸಾ ತಶೆಂ ದವರುಂಕ್ ಜಾಯ್ ಆನಿ ಹಾತಾಂತರ್ ಕರುಂಕ್ ಜಾಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಏಕ್ ವಾದ್ ತರ್, ವೆಳಾಕಾಳಾಕ್ ಸರಿ ಜಾವ್ನ್ ಆಮಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಂತ್ ಬದ್ಲಾವಣ್ ಕರಿನಾ ಜಾಲ್ಯಾರ್ ಮುಕ್ಲಿ ತರ್ನಿ ಪಿಳ್ಗಿ ಹೆಂ ಸಗ್ಳೆಂ ಆದ್ಲೆಂ, ಪರ್ನೆಂ, ವ್ಹಡಿಲಾಂಚಿಂ ಗಿತಾಂ ಮ್ಹಣ್ ಸಾಂಗೊನ್ ತಿರಸ್ಕಾರ್ ಕರ್ಚೊ ಸಂಭವ್ ಆಸಾ. ತವಳ್ ಆಮ್ಚಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಕೊಸ್ಯಾಕ್ ಪಡ್ತೆಲಿ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಆನ್ಯೇಕ್ ವಾದ್.

- ಮ್ಹಜ್ಯಾ ಅಭಿಪ್ರಾಯಾ ಪಮ್ರಾಣೆಂ ಪರ್ನೆಂ ಆನಿ ಸಂಪ್ರದಾಯ್ ಉರೊಂವ್ಚ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ನವೆಂ ಆನಿ ವೆಳಾಕಾಳಾಕ್ ಸರಿ ಜಾಲ್ಲ್ಯಾ ಬದ್ಲಾವಣೆನ್ ಮುಕಾರ್ ಗೆಲ್ಯಾರ್ ಹೆಂ ದಾಯ್ಜ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಪಿಳ್ಗೆಕ್ ಉರಂವ್ಕ್ ಸಲೀಸ್ ಜಾತಲೆಂ.ಹೆಂ ದಾಯ್ಜ್ ಉರಂವ್ಚ್ಯಾಕ್ ಕಿತೆಂ ಕರ್ಚೆಂ? ಇಸ್ಕೊಲಾಂನಿ ತರ್ಬೆತಿ. ಸ್ಪರ್ಧೆ ಚಲವ್ನ್ ವರ್ಚೆ. ವೊಪಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ವಿಶ್ಯಾಂತ್ ಪತ್ರ್ಕಮಾಂತ್ ಅವ್ಕಾಸ್. ಇಗರ್ಜಾಂನಿ. ಯುವಸಂಘಟನಾಂ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ತರ್ಬೆತಿ. ಮಾಹೆತ್ ಆನಿ ಜಾಣ್ವಾಯ್. ಫಿರ್ಗಜ್ ಹಂತಾರ್ ವೊಪಿಯೊ ಸ್ಪರ್ಧೆ. ಮಾಹೆತ್ ಆನಿ ಗಾಂವ್ಕ್ ಆವ್ಕಾಸ್. ವಾಡ್ಯಾಂತ್ ಜಮಾತಿ ವೆಳಾರ್ ಹ್ಯಾ ವಿಶಿಂ ತರ್ಬೆತಿ ಆನಿ ಸ್ಪರ್ಧೆ. ಕಾತೊಲಿಕ್ ಸಭಾ ವಾ ಯುವ ಸಂಘಟನಾನ್ ದಿಯೆಸೆಜ್. ವಾರಾಡೊ. ಫಿರ್ಗಜ್ ಆನಿ ವಾಡ್ಯಾ ಹಂತಾರ್ ವೊಪಿಯಾಂಚೆ ಸ್ಪರ್ಧೆ ಮಾಂಡುನ್ ಹಾಡ್ಚೆ. ಸಾಮಾಜಿಕ್

कान्यागार चलंवचें. तशेंच वोवियो म्हणतेल्यांक, संसकृती राकोन वरुंक प्रयत्न कर्च्या व्यक्तिंक, वाड्यावार/फिर्गजवार प्रोत्साह, सन्मान, आनी पुरसकार.

- माटवांत रोसावेळा अपूणच सर्व जाणां म्हळ्ळ्या स्वार्थान मायक घेवन आरंभा थावन आकेर पऱ्यांत एकले वा दोगांनी वोवियो म्हणच्यो आसात. ह्या वर्वीं मन आसल्ल्या हेरांक आवकास मेळाना. ह्या खातीर कान्यनिर्वहकान चडीत जवाब्दारी घेवन सकडांनी वोवियो वांटून म्हणाजाय म्हळ्ळो हिशारो पयलेंच दीजय.
- काजाराच्या होलांत कान्यनिर्वाहण कर्च्या व्यक्तीन येज्मान्याच्या पर्वणगेन थोड्यो पुणी वोवियो पर्गट थरान गावंक आवकास कर्न दीजय. ह्या वर्वीं आमचीं भुर्गीं वोवियांची जाण्वाय जोडतेलीं.
- ह्या मटव्या संशोध वावरा मुकांत्र, स्पषट जालाकी वोवियो कोंकणी लोकवेद संसकृतेचो एक प्रकार. वोवियांनी कोंकणी संसकृतेची, ल्सामाजीक जीवनाची, कुटमा जिणियेची, वैयुक्तीक, भावाडती जीवनाक मार्गदर्शन, सतां आनी मौल्यां लिपोन आसात. देकून ही संसकृती सर्वांनी पाळिजाय आनी राकोन वरिजाय म्हळ्ळो अभिपराय सर्वां थावन लाभला.

- ಕಾರ್ಯಾಕ್ರಮಾಂನಿ ವೊಪಿಯಾಂವಿಶಿಂ ಜಾಗೃತಿ ದೀಜಯ್, ಕ್ರೀಸ್ತಿ ಭಾವಾಡ್ತಾಚಿ ಸತಾಂ, ವೊವಿಯಾಂ ರುಪಿಂ ಶಿಕಂವ್ಕ್ ಪ್ರಯತನ್, ಕಾರ್ಯಾಗಾರ್ ಚಲಂವ್ಚೆಂ. ತಶೆಂಚ್ ವೊವಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತೆಲ್ಯಾಂಕ್, ಸಂಸ್ಕೃತಿ ರಾಕೊನ್ ವರುಂಕ್ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿಂಕ್, ವಾಡ್ಯಾವಾರ್/ಫಿರ್ಗಜ್‌ವಾರ್ ಪ್ರೋತ್ಸಾಹ್, ಸನ್ಮಾನ್, ಆನಿ ಪುರಸ್ಕಾರ್.

- ಮಾಟ್ವಾಂತ್ ರೊಸಾವೆಳಾ ಅಪುಣ್‌ಚ್ ಸರ್ವ್ ಜಾಣಾಂ ಮ್ಹಳ್ಳ್ಯಾ ಸ್ವಾರ್ಥಾನ್ ಮಾಯ್ಕ್ ಘೆವ್ನ್ ಆರಂಭಾ ಥಾವ್ನ್ ಆಕೇರ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಎಕ್ಲೆ ವಾ ದೊಗಾಂನಿ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಜ್ಯಾ ಆಸಾತ್. ಹ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ಮನ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲ್ಯಾ ಹೆರಾಂಕ್ ಆವ್ಕಾಸ್ ಮೆಳಾನಾ. ಹ್ಯಾ ಖಾತಿರ್ ಕಾರ್ಯನಿರ್ವಹಕಾನ್ ಚಡಿತ್ ಜವಾಬ್ದಾರಿ ಘೆವ್ನ್ ಸರ್ವಾಂನಿ ವೊಪಿಯೊ ವಾಂಟುನ್ ಮ್ಹಣಾಜಾಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಹಿಶಾರೊ ಪಯ್ಲೆಂಚ್ ದೀಜಯ್.

- ಕಾಜಾರಾಚ್ಯಾ ಹೊಲಾಂತ್ ಕಾರ್ಯನಿರ್ವಾಹಣ್ ಕರ್ಚ್ಯಾ ವ್ಯಕ್ತಿನ್ ಯೆಜ್ಮಾನ್ಯಾಚ್ಯಾ ಪರ್ವಣ್ಗೆನ್ ಥೊಡ್ಯೊ ಪುಣಿ ವೊಪಿಯೊ ಪರ್ಗಟ್ ಥರಾನ್ ಗಾಂವ್ಕ್ ಆವ್ಕಾಸ್ ಕರ್ನ್ ದೀಜಯ್. ಹ್ಯಾ ವರ್ವಿಂ ಆಮ್ಚಿಂ ಭುರ್ಗಿಂ ವೊಪಿಯಾಂಚಿ ಜಾಣ್ವಾಯ್ ಜೊಡ್ತೆಲಿಂ.

- ಹ್ಯಾ ಮಟ್ವ್ಯಾ ಸಂಶೋಧ್ ವಾವ್ರಾ ಮುಕಾಂತ್ರ್, ಸ್ಪಷ್ಟ್ ಜಾಲಾಕೀ ವೊಪಿಯೊ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಲೊಕ್‌ವೆದ್ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚೊ ಏಕ್ ಪ್ರಕಾರ್. ವೊಪಿಯಾಂನಿ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚಿ, ಸಾಮಾಜಿಕ್ ಜೀವನಾಚಿ, ಕುಟ್ಮಾ ಜಿಣೆಯೆಚಿ, ವೈಯುಕ್ತಿಕ್, ಭಾವಾಡ್ತಿ ಜೀವನಾಕ್ ಮಾರ್ಗದರ್ಶನ್, ಸತಾಂ ಆನಿ ಮೌಲ್ಯಾಂ ಲಿಪೊನ್ ಆಸಾತ್. ದೆಕುನ್ ಹಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಸರ್ವಾಂನಿ ಪಾಳಿಜಾಯ್ ಆನಿ ರಾಕೊನ್ ವರಿಜಾಯ್ ಮ್ಹಳ್ಳೊ ಅಭಿಪ್ರಾಯ್ ಸರ್ವಾಂ ಥಾವ್ನ್ ಲಾಭ್ಲಾ.

संपवणी

आमच्या आदल्या काऱ्यांनी आसल्ली ती सोभाय, आमच्या मालघड्यांनी सांबाळन हाडल्ली ती संसकृतेची ग्रेसतकाय पाटीं हाडुंक आमकां आतां साध्य आसागी? आदीं थावन आयिल्लें संसकृतेचें दिर्वें उर्जीत करुंक आनी आमची काऱ्यीं आर्थाभरीत आनी आकरषीत करुंक निरंतर प्रयत्न गर्ज. साध्य आसल्लेकडे ह्या विषयांत जागृती उटयजाय. आनी आशें आमच्या संसकृतेची ग्रेसतकाय सदांच जिवाळ दवरुंक आमी प्रयतन करुंक जाय. खंयसर वोवियो म्हणोंक संदर्भ आसातगी त्या सगळ्या संदर्भांनी वोवियो म्हणचें प्रयतन करिजाय. आजकाल रोसा वेळार मात्र पर्गट थरान वोवियो म्हणजे आवकास आमच्या काजारांनी आसात. काजारा दिसा असलो संदर्भ नपंयच जाला. थोडेकडे कुडांत साडो न्हेसयताना नांवातेकीत वोवियो म्हणतात. ह्या वर्वीं आमच्या तर्न्या पिळगेक काजारा दिसा वोवियो आयकोंचो आनी शिकचो आवकास होगडावन घेतल्लेबरी जाला.

खंचीय एक भास जर तिचो वापार निरंतर जायना तर ती भास आळवोन वेता. तशेंच एक संसकृती जर तिचो समाज वापार करिना वा ती उरवंक प्रयतन करिना तसली संसकृती आळवोन वेच्यांत दुभाव ना. आमच्या ह्या ग्रेसत वोवियां संसकृतिचो निरंतर वापार करून ती जिवी दवर्ची जवाब्दारी प्रसतूत कोंकणी समाजेची जावनासा.

आमच्या कोंकणी कातोलीक समाजेच्या काजार अनी सोबाणां मुकांत्र अजून पऱ्यांत मालघड्यांनी सांबाळन दवरल्ली ही संसकृती आमच्या हातीं पावायल्या. हें दायज राकचें, वाडंवचें आनी मुकल्या पिळगेक पावंवचें आमच्या हातीं आसा.

ಸಂಪವ್ಣಿ

ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಆದ್ಲ್ಯಾ ಕಾಯ್ರ್ಯಾಂನಿ ಆಸ್‌ಲ್ಲಿ ತಿ ಸೊಭಾಯ್. ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂನಿ ಸಾಂಬಾಳ್ನ್ ಹಾಡ್‌ಲ್ಲಿ ತಿ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚಿ ಗ್ರೇಸ್ತ್‌ಕಾಯ್ ಪಾಟಂ ಹಾಡುಂಕ್ ಆಮ್ಕಾಂ ಆತಾಂ ಸಾಧ್ಯ್ ಆಸಾಗೀ? ಆದಿಂ ಥಾವ್ನ್ ಆಯಿಲ್ಲೆಂ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚೆಂ ದಿರ್ವೆಂ ಉರ್ಜಿತ್ ಕರುಂಕ್ ಆನಿ ಆಪ್ಲಿಂ ಕಾರ್ಯಿಂ ಅರ್ಥಾಭರಿತ್ ಆನಿ ಆಕರ್ಷಿತ್ ಕರುಂಕ್ ನಿರಂತರ್ ಪ್ರಯತ್ನ್ ಗರ್ಜ್. ಸಾಧ್ಯ್ ಆಸ್‌ಲ್ಲೆಕಡೆ ಹ್ಯಾ ಪಿಶ್ಯಾಂತ್ ಜಾಗೃತಿ ಉಟಯ್ಜಾಯ್. ಆನಿ ಅಶೆಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಸಂಸ್ಕೃತೆಚಿ ಗ್ರೇಸ್ತ್‌ಕಾಯ್ ಸದಾಂಚ್ ಜಿವಾಳ್ ದವರುಂಕ್ ಆಮಿ ಪ್ರಯತನ್ ಕರುಂಕ್ ಜಾಯ್. ಖಂಯ್ಸರ್ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣೊಂಕ್ ಸಂದರ್ಭ್ ಆಸಾತ್ಗೀ ತ್ಯಾ ಸಗ್ಳ್ಯಾ ಸಂದರ್ಭಾಂನಿ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚೆಂ ಪ್ರಯತನ್ ಕರಿಜಾಯ್. ಆಜ್‌ಕಾಲ್ ರೊಸಾ ವೆಳಾರ್ ಮಾತ್ರ್ ಪರ್ಗಟ್ ಥರಾನ್ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ಚೆ ಆವ್ಕಾಸ್ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರಾಂನಿ ಆಸಾತ್. ಕಾಜಾರಾ ದಿಸಾ ಅಸಲೊ ಸಂದರ್ಭ್ ನಪಂಯ್ಚ್ ಜಾಲಾ. ಥೊಡೆಕಡೆ ಕುಡಾಂತ್ ಸಾಡೊ ನ್ಹೆಸಯ್ತಾನಾ ನಾಂವಾತೆಕಿತ್ ವೊಪಿಯೊ ಮ್ಹಣ್ತಾತ್. ಹ್ಯಾ ವರ್ಸಾಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ತರ್ನ್ಯಾ ಪಿಳ್ಗೆಕ್ ಕಾಜಾರಾ ದಿಸಾ ವೊಪಿಯೊ ಆಯ್କೊಂಚೊ ಆನಿ ಶಿಕ್ಚೊ ಆವ್ಕಾಸ್ ಹೊಗ್ಡಾವ್ನ್ ಘೆತ್‌ಲ್ಲೆಬರಿ ಜಾಲಾ.

ಖಂಚಿಯ್ ಏಕ್ ಭಾಸ್ ಜರ್ ತಿಚೊ ವಾಪಾರ್ ನಿರಂತರ್ ಜಾಯ್ನಾ ತರ್ ತಿ ಭಾಸ್ ಆಳ್ವೊನ್ ವೆತಾ. ತಶೆಂಚ್ ಏಕ್ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಜರ್ ತಿಚೊ ಸಮಾಜ್ ವಾಪಾರ್ ಕರಿನಾ ವಾ ತಿ ಉರಂವ್ಕ್ ಪ್ರಯತನ್ ಕರಿನಾ ತಸಲಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಆಳ್ವೊನ್ ವೆಚ್ಯಾಂತ್ ದುಭಾವ್ ನಾ. ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹ್ಯಾ ಗ್ರೇಸ್ತ್ ವೊಪಿಯಾಂ ಸಂಸ್ಕೃತಿಚೊ ನಿರಂತರ್ ವಾಪಾರ್ ಕರುನ್ ತಿ ಜಿಪಿ ದವರ್ಚಿ ಜವಾಬ್ದಾರಿ ಪ್ರಸ್ತುತ್ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಮಾಜೆಚಿ ಜಾವ್ನಾಸಾ.

ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕಾತೊಲಿಕ್ ಸಮಾಜೆಚ್ಯಾ ಕಾಜಾರ್ ಆನಿ ಸೊಬಾಣಾಂ ಮುಕಾಂತ್ರ್ ಅಜೂನ್ ಪರ್ಯಾಂತ್ ಮಾಲ್ಘಡ್ಯಾಂನಿ ಸಾಂಬಾಳ್ನ್ ದವರ್‌ಲ್ಲಿ ಹಿ ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹಾತಿಂ ಪಾವಾಯ್ಲ್ಯಾ. ಹೆಂ ದಾಯ್ಜ್ ರಾಕ್ಚೆಂ, ವಾಡಂವ್ಚೆಂ ಆನಿ ಮುಕ್ಲ್ಯಾ ಪಿಳ್ಗೆಕ್ ಪಾವಂವ್ಚೆಂ ಆಮ್ಚ್ಯಾ ಹಾತಿಂ ಆಸಾ.

आधार ग्रंथ

१. भायल्यानआयलो व्होर– वोवियो वेर्स संग्रहण – पर्गटणारः कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी– २००८ – संग्रहः श्रीमती ऐरीन रेबेल्लो.

२. 'कोंकणी कसतूरी'– (कोंकणी साहित्य– संसकृती परिचय) – पर्गटणारः हेमंत साहित्य– २०१४ – बरयणारः श्री स्टीवन क्वाड्रस पेर्मुदे.

३. कोंकणी दायज प्रबंध संकलन – पर्गटणारः कोंकणी संस्थो – सां लुवीस महाविद्यालय, मंगळूर – १९९६.

४. मोग्रें–कारण–पर्गटणारः पडवळ प्रकाशन –२००८– बरयणारः श्री पावल मोरास.

५. कानीं घालें तेल – पर्गटणारः जे.जे. पबलिकेशन्स– २०१५ – संग्रहः श्रीमती ग्ल्याडीस क्वाड्रस.

६. वोवियो आनी वेर्स – पर्गटणारः कोंकणी संस्थो – सां लुवीस महाविद्यालय मंगळूर– १९८७ – बरयणारः अलबन कासतेलीन.

७. अल्लुबायी – कोंकणी भाषेचें मनश्या शासतीर भाग २ – पर्गटणारः विवेक प्रगती, हळियाळ – १९९६ – बरयणारः स्वामी सुपरिया जे.स.

८. कोंकणी क्रिसतांव काजारां – पर्गटणार : कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी– २०१५ – बरयणारः हेरोल्पियूस

९. आमचीं आदलीं काजारां – पर्गटणार : दिवो प्रकाशन, मुंबय, २००२ – संपादनः श्री. वी. डिसिलव, कांजूर मार्ग.

१०. आमचें दायज – पर्गटणार : जे.जे. पबलिकेशन्स– २०१६ – संग्रहः श्री स्टीवन क्वाड्रस पेर्मुदे आनी श्रीमती ग्ल्याडीस क्वाड्रस पेर्मुदे.

११. कोंकणी तुरो १ (मंगळूर विश्वविद्यानिलयाच्या पद्वी क्लाशिंच्या कोंकणी पाठक्रमाक पाठ पुसतक) – पर्गटणारः कर्नाटक कोंकणी साहित्य आकाडेमी.

१२. सुरग्यासर – कोंकणी लोकवेदाचे संग्रह – पर्गटणारः बसती प्रकाशन – २००५ – डा. जोत्स्न्या कामत.

१३. *Cultural Anthropology - New York, Knopf - 1955 –By Melville J Herskovits.*

ಆಧಾರ್ ಗ್ರಂಥ್

1. ಭಾಯ್ಲ್ಯಾನ್‌ಆಯ್ಲೊ ವ್ಹೊರ್– ವೊಪಿಯೊ ವೇರ್ಸ್ ಸಂಗ್ರಹಣ್ – ಪರ್ಗಟ್ನಾರ್: ಕರ್ನಾಟಕ ಕೊಂಕಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯ ಅಕಾಡೆಮಿ– 2008 – ಸಂಗ್ರಹ್: ಶ್ರೀಮತಿ ಐರಿನ್ ರೆಬೆಲ್ಲೊ.
2. ‘ಕೊಂಕಣಿ ಕಸ್ತೂರಿ’– (ಕೊಂಕಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯ್– ಸಂಸ್ಕೃತಿ ಪರಿಚಯ್) – ಪರ್ಗಟ್ನಾರ್: ಹೇಮಂತ ಸಾಹಿತ್ಯ– 2014 – ಬರಯ್ನಾರ್: ಶ್ರೀ ಸ್ಟೀವನ್ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್ ಪೆರ್ಮುದೆ.
3. ಕೊಂಕ್ಣಿ ದಾಯ್ಜ್ ಪ್ರಬಂಧ್ ಸಂಕಲನ್ – ಪರ್ಗಟ್ನಾರ್: ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಥೊ – ಸಾಂ ಲುವಿಸ್ ಮಹಾಪಿದ್ಯಾಲಯ್, ಮಂಗ್ಳುರ್ – 1996.
4. ಮೊಗ್ರೆಂ–ಕಾರಣ್–ಪರ್ಗಟ್ನಾರ್: ಪಡ್ವಳ್ ಪ್ರಕಾಶನ್ –2008– ಬರಯ್ನಾರ್: ಶ್ರೀ ಪಾವ್ಲ್ ಮೊರಾಸ್.
5. ಕಾನಿಂ ಫಾಲೆಂ ತೇಲ್ – ಪರ್ಗಟ್ನಾರ್: ಜೆ.ಜೆ. ಪಬ್ಲಿಕೇಶನ್ಸ್– 2015 – ಸಂಗ್ರಹ್: ಶ್ರೀಮತಿ ಗ್ಲ್ಯಾಡಿಸ್ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್.
6. ವೊಪಿಯೊ ಆನಿ ವೇರ್ಸ್ – ಪರ್ಗಟ್ನಾರ್: ಕೊಂಕ್ಣಿ ಸಂಸ್ಥೊ – ಸಾಂ ಲುವಿಸ್ ಮಹಾವಿದ್ಯಾಲಯ್ ಮಂಗ್ಳುರ್– 1987 – ಬರಯ್ನಾರ್: ಅಲ್ಬನ್ ಕಾಸ್ತೆಲಿನ್.
7. ಅಲ್ಲುಬಾಯಿ – ಕೊಂಕ್ಣಿ ಭಾಷೆಚೆಂ ಮನ್ಶ್ಯಾ ಶಾಸ್ತಿರ್ ಭಾಗ್ 2 – ಪರ್ಗಟ್ನಾರ್: ವಿವೇಕ ಪ್ರಗತಿ, ಹಳಿಯಾಳ್ – 1996 – ಬರಯ್ನಾರ್: ಸ್ವಾಮಿ ಸುಪ್ರಿಯಾ ಜೆ.ಸ.
8. ಕೊಂಕ್ಣಿ ಕ್ರಿಸ್ತಾಂವ್ ಕಾಜಾರಾಂ – ಪರ್ಗಟ್ನಾರ್ : ಕರ್ನಾಟಕ ಕೊಂಕಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯ ಅಕಾಡೆಮಿ– 2015 – ಬರಯ್ನಾರ್: ಹೆರೊಲ್ಬಿಯುಸ್
9. ಆಮ್ಚಿಂ ಆದ್ಲಿಂ ಕಾಜಾರಾಂ – ಪರ್ಗಟ್ನಾರ್ : ದಿವೊ ಪ್ರಕಾಶನ್, ಮುಂಬಯ್, 2002 – ಸಂಪಾದನ್: ಶ್ರೀ. ವಿ. ಡಿಸಿಲ್ವ, ಕಾಂಜೂರ್ ಮಾರ್ಗ್.
10. ಆಮ್ಚೆಂ ದಾಯ್ಜ್ – ಪರ್ಗಟ್ನಾರ್ : ಜೆ.ಜೆ. ಪಬ್ಲಿಕೇಶನ್ಸ್– 2016 – ಸಂಗ್ರಹ್: ಶ್ರೀ ಸ್ಟೀವನ್ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್ ಪೆರ್ಮುದೆ ಆನಿ ಶ್ರೀಮತಿ ಗ್ಲ್ಯಾಡಿಸ್ ಕ್ವಾಡ್ರಸ್ ಪೆರ್ಮುದೆ.
11. ಕೊಂಕ್ಣಿ ತುರೊ 1 (ಮಂಗ್ಳುರ್ ವಿಶ್ವವಿದ್ಯಾನಿಲಯಾಚ್ಯಾ ಪದ್ವಿ ಕ್ಲಾಸಿಂಚ್ಯಾ ಕೊಂಕ್ಣಿ ಪಾಠ್‌ಕ್ರಮಾಕ್ ಪಾಠ್ ಪುಸ್ತಕ್) – ಪರ್ಗಟ್ನಾರ್: ಕರ್ನಾಟಕ್ ಕೊಂಕಣಿ ಸಾಹಿತ್ಯ ಆಕಾಡೆಮಿ.
12. ಸುರಗ್ಯಾಸರ –ಕೊಂಕಣಿ ಲೊಕ್‌ವೆದಾಚೆ ಸಂಗ್ರಹ್ – ಪರ್ಗಟ್ನಾರ್: ಬಸ್ತಿ ಪ್ರಕಾಶನ – 2005 – ಡಾ. ಜೋತ್ಸ್ನಾ ಕಾಮತ್.
13. *Cultural Anthropology - New York, Knopf - 1955 -By Melville J Herskovits.*

Adhar Gronth

1. **Bhaileanailo vhor- vovio vers songrohonn - porgottnnar:** kornattoko konkonni sahityo okaddemi- 2008 - songroh: Xrimoti Irine Rebello.
2. **'Konknni kosturi'- (konkonni sahity- somskriti porichoi) - porgottnnar:** hemonto sahityo- 2014 - boroinnar: Xri Stephen Quadros Permude.
3. **Konknni Daiz probondh sonkolon - porgottnnar:** Konknni somstho - sam luvis mohavidealoi, mongllur - 1996.
4. **Mogrem-karonn-porgottnnar:** poddvoll prokaxon -2008- boroinnar: Xri Paul Moras.
5. **Kanim ghalem tel - porgottnnar:** je.Je. Poblikexons- 2015 - songroh: Xrimoti gleaddis kvaddros.
6. **Vovio ani vers - porgottnnar:** Konknni somstho - sam luvis mohavidealoi mongllur- 1987 - boroinnar: olbon kastelin.
7. **Ol'lubayi - Konknni bhaxechem monxea xastir bhag 2 - porgottnnar:** viveko progoti, holliall - 1996 - boroinnar: svami supria je.So.
8. **Konknni kristamv kazaram - porgottnnar** : kornattoko konkonni sahityo okaddemi- 2015 - boroinnar: Herolpius
9. **Amchim adlim kazaram - porgottnnar** : divo prokaxon, mumboi, 2002 - sompadon: Xri. Vi. Ddisilvo, kanzur marg.
10. **Amchem Daiz - porgottnnar** : je.Je. Poblikexons- 2016 - songroh: Xri Stephen Quadros Permude ani Xrimoti gleaddis kvaddros Permude.
11. **Konknni turo 1 (mongllur vixvovideaniloyachea podvi klaxinchea Konknni patthkromak patth pustok) - porgottnnar:** kornattok konkonni sahityo akaddemi.
12. **Surogeasoro -konkonni lokvedache songroh - porgottnnar:** bosti prokaxono - 2005 -dda. Zotsnea kamot.
13. **Cultural Anthropology** - New York, Knopf - 1955 –By Melville J Herskovits.

Sompounni

Amchea adlea kareamni asl'li ti sobhai, amchea malghoddeamni samballn haddl'li ti somskritechi grestkai pattim haddunk amkam atam sadhy asagi? adim thaun ayil'lem somskritechem dirvem urjit korunk ani amchi karyim arthabhorit ani akorxit korunk nirontor proitn gorz. Sadhy asl'lekodde hea vixeant zagriti uttoizai. Ani axem amchea somskritechi grestkai sodanch jivall dourunk ami proiton korunk zai. Khoimsor vovio mhonnonk sondorbh asatgi tea sogllea sondorbhamni vovio mhonnchem proiton korizai. Azkal rosa vellar matr porgott thoran vovio mhonnje aukas amchea kazaramni asat. Kazara disa osolo sondorbh nopomych zala. Thoddekodde kuddant saddo nhesoitana namvatekit vovio mhonntat. Hea vorvim amchea tornea pillgek kazara disa vovio aikoncho ani xikcho aukas hogddaun ghetl'lebori zala.

Khonchiy ek bhas zor ticho vapar nirontor zaina tor ti bhas allvon veta. Toxench ek somskriti zor ticho somaz vapar korina va ti urounko proiton korina tosoli somskriti allvon vecheant dubhavo na. Amchea hea grest voviam somskriticho nirontor vapar korun ti jivi dourchi zovabdari prostut Konknni somajechi zaunasa.

Amchea Konknni katolik somajechea kazar oni sobannam mukantr ozun poreant malghoddeamni samballn dourl'li hi somskriti amchea hatim pauailea. Hem Daiz rakchem, vaddomvchem ani muklea pillgek paumvchem amchea hatim asa.

proitn korchea vyoktink, vaddeavar/firgozvar protsah, sonman, ani puroskar.

- Mattvant rosavella opunnch sorv zannam mholl'llea svarthan maik gheun arombha thaun aker poreant ekle va dogamni vovio mhonncheo asat. Hea vorvim mon asl'lea herank aukas mellana. Hea khatir karyonirvohokan choddit zovabdari gheun sokddamni vovio vanttun mhonnazai mholl'llo hixaro poilench dizoi.
- Kazarachea holant karyonirvahonn korchea vyoktin yejmaneachea porvonngen thoddeo punni vovio porgott thoran gaunko aukas korn dizoi. Hea vorvim amchim bhurgim vovianchi zannvai zoddtelim.
- Hea mottvea sonxodh vaura mukantr, spoxtt zalaki vovio Konknni lokved somskritecho ek prokar. Voviamni Konknni somskritechi, ssamajik jiunachi, kuttma jinniechi, voiyuktik, bhavaddti jiunak margodorxon, sotam ani mouleam lipon asat. Dekun hi somskriti sorvamni pallizai ani rakon vorizai mholl'llo obhiprai sorvam thaun labhla.

Odhyai 14. Voviam Somskriticho Fuddar

- Voviam somskritechem daiz rakon vorcheak muklea zonangak hostantor korcheak zaitim suchonam labhleant. Zoxem resperachea misak, festanchea misank, kontaracheo koddtileo kortat toxem rosa disa gaunko ascheo vovio, karyem korchea kuttman poilench toyar korun chhapun koddtil korizoi. Ani rosak hazor asl'lea sorvamni sangata tallo mellounko zai. Hem ek kareagot koryet tosolem suchon.
- Kazarank va rosak bhurgeank vhoddilamni sangata vorun voviamvixim somzonni dizoi ani kareak vetana ek va don vovio mhonnonk toyar korn bhurgeankorna sangoizai. Karea nirvahokan bhurgeank toxench tornatteank vovio mhonnonk aukas korn dizoi ani voviam voir spordho choloun inam' dizoi. Hem ek probhavik ani kareagot koryet asl'lem suchon.
- Voviam somskriti aniki chodd probhavit thoran mukar vorcheak sorv sahity adlench dourun akorxit talle ghoddun voviank novem rup divyet. Punn hanga don thoracho vad mhaka aikonk mell'llo. Talle bodlilear mull somskritechem khaxelemponn urtave? Konknni, lokved zatave? lokved tonddi sahity va songit. Tem asa toxem dourunk zai ani hatantor korunk zai mholl'llo ek vad tor, vellakallak sori zaun ami somskritent bodlaunn korina zalear mukli torni pillgi hem sogllem adlem, pornem, vhoddlimamychim gitam mhonn sangon tiroskar korcho sombhou asa. Toull amchi somskriti konxeak poddteli mholl'llo onyek vad.
- Mhojea obhipraya pormannem pornem ani somprodai uromvcheakhatir novem ani vellakallak sori zal'lea bodlaunnen mukar gelear hem Daiz amchea muklea pillgek urounko solis zatolem.Hem Daiz uromvcheak kitem korchem? iskolamni torbeti, spordhe choloun vorche, voviam somskriti vixeant potthyokromant ovkas, igorzamni, yuvosonghottonam mukantr torbeti, mahet ani zannvai, firgoz hontar vovio spordhe, mahet ani gaunko aukas, vaddeant zomati vellar hea vixim torbeti oni spordhe, katolik sobha va yuvo songhottanan diesez, varaddo, firgoz ani vaddea hontar vovianche spordhe manddun haddche, samajik kareakromamni voviamvixim zagriti dizoi, kristi bhavaddtachi sotam, voviam rupim xikounko proiton, kareagar cholomvchem. Toxench vovio mhonnteleank, somskriti rakon vorunk

Odhyai 13. Sonxodhik Sodnam

- Prostut borpim aschea vovianchi ghoddaull, utrancho punzo, prasachi rit ani tikxnn sondex voroun polloitana ek soval udetaki amchea malghoddeank osolem ginean, zannvai, sahityik gunddai koxi labhligi mhonn.Malghoddeamni tanchea jinnyeche godd ani koddu onubhou ongant jiroun, motint voroun, kallzachea gunddayent ottoun je kitem utramni vyokt kelam tem amkam oz voviam sahiteant labhta.
- Ozun vovio gamvchim amchim malghoddim chodd xikl'lim va budvont nhoim tori ghontteagattlean tanchea ugddasa bhonddara thaun vovio udkachi zhor valll'leabori valltat ani thoddim tokxonn vovio ghoddtat ani gaitat. Hem dekt'tana Konknni tonddi sahiteacho probhavo amchea malghoddeancha jiunant kitlo asl'lo mholl'llo ondaz zata.
- Malghoddeank bhetton somzonni zoddlea uprant apnnak kollon ailenki voviam somprodayachem mull Konknni hindu somudai. Hindu dharmik toxem samajik kareamni voviam- prokar kovite rupar asl'lo. Kromenn konveddtor zal'lea kristamv lokan tanka zannam asl'lea voviamni hindu devanchim namvam bodlun kristamv devak, moriek, jezuk ani santank zago dilo.
- Voviam somskriti azkal fokot rosachea disa matr polleunko mellta. Azkalchim kazarachim karyim holamni choltat dekun vovio mhonncho aukas na zala. Hea vorvim kazaracheo vovio amchea novea pillgek aikonk aukasnastana muklea disamni visor poddcho apai asa.
- Voviancho visor poddonk promuk karonn kazarachea disa, kazarachem sal, karyem nivorhonn, kettoring, songit pongodd, hem sokkodd poixe diun kontrattachea lekar korun samskritik songtincheaki chodd gomon khell, monoronzonak amanot dourla. Vovianchem sondorbh mayag zaleat.
- Voviamni pojddeponn rigl'lean, nitoll arthabhorit vovio mhonnteleank loz bhogon vovio mhonnonk patti kortat.

pauttim mhonnunk asta ani heramni ti ordhea thaun gaunko asta. Punn eklen mholl'llele voviek zap diunko matr herank tonddant avalle addaitat. Azkalchea rosa kareamni moik asta zal'lean konni eka-doganchea hatim tem mellta ani moika khatir pontatt cholcho asta. Tea modhem thodde paddari moik voddn gheun 'boppor' utrancheo opnnench ghoddl'leo vovio(?) mhonnun 'zonn' zatat tednam teo pojddeo utramvolli aikal'lo lok musmuso hasun mholl'lleleachi moread tin tagddeancher tukta! chear kasank vikta!! moik hatim melll'li stri opunn'nch lota mongexkor zaun herank maik dinaxem vis-tis vovio mhonnunk vod'daddtana dusri ekli suroyea khoim thaun punni onyek maik haddoun vovio mhonnunk vod'daddta ani ekli opunn axa bhomsle zaunko pechaddchem asa. Punn him matr heramni mholl'llea voviek zap dinant. Hazor asl'le kedalla deva hea kogullencho pontatt sompat ani rongall glas vanttun yetit mhonn rakon thoktat. Thoddekodden vovio mhonnunk striyo mukar yenant vo aileari mhonnonk kollit nastam/puttvanastam moni rautat tednam kareanirvahokan'nch vovio mhonnaje poddtat. (Odhar: bhailean ailo vhor - Xrimoti Irine Rebello)

poilenchea disamni vovio mhonnteleo striyo, hoklek vo noureak fudd korun rautaleo ani hokle vo noureache maulle, baple toxem her dadle pattlean dindde manai zaun ube astale. Voviank zapyi ditale toxem khud don-chear vovio mhonntale. Azkal viddio kaddtele hokle-noureachea auyk matr mukar fudd korun rauytat ani heram sorvank pattlean ube korun fotto kaddoitat. Pondra vis zonnam rauleari vovio mhonnchim ani zap dimvchim dogam-chougam matr.

Aichea mattvamni vovio gaitolim unnim zaun aileant. Sobarank teo auddnant, bodlak adhunik podam vo nach chodd posond kortat. Bhovoch arthabhorit rosa karyem pojddea voviamni ani axlil podamni goliz korun ghalam. Voviank aichea thoddea tornatteamni aplinch utram bosoun gaun kareanchi moread kaddunk suru kelam. Voviamni attaplolo gunddayecho arth aicho Konknni lok nenna zala vo zannam zaunko toyar na zala.

Malghoddeam thaun amkam labhl'lem hem daiz otam somskritechea namvatekid matr choloun vorchem amkam dista. Hi prostut porigot vovio mholl'llea Konknni lokved ani Konknni somskritichea mull chintpak ani ud'dexak virodh veta.

Azkal vellachea, zageachea abhavan ani zaitea her karonnank lagon karyim unnim zaleant. Kareanchi audi mottvi zalea ani karyim salamni ya holamni choltat. Ani karyem nirvahok sogllea sokten sogllem karyem ekloch choloun vhorta. Ani url'le sokkodd tannem sangl'lebori kortat ya mukprekxok zaun urtat. Vovio ani vers amchea somskritichi ani somudayachi osmitai ukoln dakomvchem ek madhyom'. Punn azkalchea spordhatmok, adhunik toxem vegachea kallar kazarachem sal, karyem nivarhok, kettoring, songit pongodd hem sokkodd poixe diun kontrattachea lekar kortana vovianchem sondorbh mayag zaleat. Vovio mhonnteleanchim tonddam bond poddleant. Vovio mhonnchem adlem feaxon mholl'llem chintap ghuslam. Ani orthabhorit vovianchea zagear orth natl'lim, ubgonn haddomvchim achoronnam bhitor rigleant. Axem amchea somskritechi asmitai bonn ubl'lea vosturabori rongavinn zalea.

Amche modhem protyek zaun xherantlea striyam thoim eka thoracho monobhavo dison yeta. Vovio mhonnchem gamvchamni ya holl'llechamnim. Amche tosoleam grest ani xikpeamni vovio mhollear amkam polletelim kitem mhonntit? amcha ontostak ya mott'ttak vovio mhonnchem soma poddana. Sokkodd soddn ami itlim bijhi astana hea vovianchi gorz tori konnak asa? osolem chintap soukas holl'llemni vistarchem dison yeta. Hantum amkam amchea somskrite thoim aschea obhimanachem mott'tt dison yeta.

Poristhiti thoddekodde axi asa tori, thoddekodde vovio mhonnteleank bhari khais ascho polleunko mellta. Thoddinch vovio mhonntelim asat dekun ros, kazar zalear tankanch poilem sangon dourtat. Ho ek somadhanecho onx tori hanche uprant vovianchi noklam kortat. Vovio mhonnonk tornattim konni mukhar yenant. Praivontam thoddim vovio mhonntat tori zap ditelim disanant.

Aichea kallar kazar mhollear hoklek noureak ul'lasun jevann korn vechem ek karyem zaunko paulam. Amchea somskritecher bhailea achoronnancho probhavo poddla. Poristhiti axi asa mhonntana amkam amchea somskritechea mullakch kuradd dourl'lo onbog zata. Hea poristhitenti somadhanechi ek gozal mhollear hea disamni rosachea kareant zaitekodde adli rit rivaz samballchem, bendda-vhajpar god'dallayen karyem cholomvchem porot dison yeta.

Aichea rosa mattvamni vovio tonddpatt yenatl'lim thoddim kagdacher boroun haddtat vo buk gheun vachtat. Ek vovi gaitelen dodor

Odhyai 12. Voviam Somskritichi Prostut Porigot

Vovio rosachea kareacho prodhan vantto. Vovio nastana rosak sobhai na. Az vovio gaitoleancho sonkho unno zala. Tonddpaxi vovio yenant dekun buk polleun gaije poddta. Azkal Carmine mauxi, Lilly voni, Kattubai oni Battuboppu aileant tor karyem surum koream mhonnche dis pauleat. Kiteak tanka soddlear url'leank vovio kollit nant. Anim timyi natlear C.D. Ghaln songit koullemni rekardd zal'leo vovio aikunchem nirbhagponn amchem.

Hokle/noureache gunn gain korn, tanchi pokriponnachi choritra sangun, kuttmacha montonachi vhoddvik ucharn, tanchea muklea kazari jivitak margodorxon dimvchem voviancho mull ud'dex. Punn osolye opurbayechea kareant konn punnyi ek kiddo asta. Apnnachi souy ani budvontkai dakomvcheak maikrofon voddn kanngheun, konn asat konn nant mhonn porva korinastana oplem mhellem tondd ugoddtoch, sorag vhallunk suru zatat tallmull natloleo pojddeo vovio. Thoddekodden teo itlea kill mott'ttacheo mhollear zomlolea soglleanim tokli pondak ghalcheak onivary zata. Paunatl'leak tullu bhaxen axem toxem sangtat mhonn moskiryo korun amkanch ami holk korn ghetamv. (Odhar: kiryantlim kirnnam - monoz Fernandes - march 2018 - pan sonkho 28)

Koddeall Konknni kristamvanchim azkalchim kazaram paromporik riti-rivajenk moddun, dexi-i vo pradexik somprodayenk soddn, dhormachea toxem bhoktechea xrod'dhenk sanddun, achar-vicharank tanddun orthavinn zaleant. Yantrik toxem nattoki-i zaun geleant. Pordexi ani amchea somskrite bhailim zaun aileant. Mongllurchea lokachi somskriti novich zaun rupit zayit't ailea. Poilem rosa kareak gumttam vhazomvchim, brasbendda songim podam gaun nachchem, ros pusche poilem magnnem mhonnun kristi bhavaddt jivo dourchem Canara konkonni kristamvank rivaz zaun ayil'li. Az kal gumttam disanant tori thodde kodden bras bendd asta. Ddi.Je.Y torne pillgek rat bhor nachon moza marunk kumok korta. Kazara disa opsun ditana adim sampradayik thoran vovio vers mhonnon hoklek opsun ditalim. Punn azkal bhaddeachea songit pongddadvarim adhunik songit ani nachak chodd pramukhyota dilea. Voviamni attaplolo gunddayecho arth adhunik Konknni lok nennam va zannam zaunko toyar na. (Odhar: Konknni kristamv kazaram - Herolpius - pan sonkho 24-27)

- katolik sobha va yuvo songhottanan diesez, varaddo, firgoz ani vaddea hontar vovianche spordhe manddun haddche,
- yuvosonghottonam mukantr torbeti,
- kazarank va rosak bhurgeank vhoddilamni sangata vorun voviamvixim somzonni dizoi, ani kareak vetana ek va don vovio toyar korn bhurgeankorna sangoizai.
- Kareanirvahokan bhurgeank toxench tornatteank vovio mhonnonk aukas korn dizoi ani voviam voir spordho choloun inam' dizoi.
- Karyonirvahokan gorjebhailem vivoronn niyontronn korn ani her khell unne korn, vovianchea spordheant bhurgeamni, yuvozonnamni ani malghoddeamni patr ghemvchebori karyem manddizai.
- Rosak tea dis mhonncheo vovio chhapun koddtileo korn soireank vanttizai ani sokddank gaunko aukas korn dizoi.
- Rosavellim voviamvixim karyonirvahokan lokak thoddi mahet divyet.
- Konknni ghoramni kuttmachim sangata melltana vovio mhonnchi dostur arombh korizai.
- Reddio, ttivi, ontorzall ani itor madhyomam mukantr prochar dizoi.
- Malghoddea vovio gaupi, gaupinneamni mattvant sokddanki vovio gaunko aukas korn dimvcho.
- Vovio gamvchea vyoktink puroskar dizoi.
- Vhoddilamni bhurgeank vovio gaunko protsah dizoi.

Soval 16: amchea novea pillgek (bhurgeank ani tornatteank) vovio versacho mohotv ani vapar somzaunko kosolem sadhon koryet mholl'llea sovalak ayil'lim suchonam.

- Malghoddeank apoun tanche thaun bhurgeank ani tornatteank vovianchi torbeti divyet.
- Konknni ghoramni kuttmachim sangata melltana vovio mhonnchi dostur arombh korizai.
- Reddio, ttivi, ontorzall ani itor madhyomam mukantr prochar dizoi.
- Voviamvixim moboil ap, siddi, ddividdi toyar korchem.
- Iskolachea potthyokromant voviank ovkas.
- Karyonirvahokan choddit vivoronn mottvem korn ani khell unne korn vovianchea spordheak chodd gomon dizoi.
- Karyonirvahokan gorjebhailem vivoronn niyontronn korn ani her khell unne korn, vovianchea spordheant bhurgeamni, yuvozonnamni ani malghoddeamni patr ghemvchebori karyem manddizai.
- Nove akorxit talle ghoddche.

Vovio Konknni somskriticho ek ut'tom' prokar. Survilea vovianche vixlexonn kelear tantun oputt Konknni utram, nitoll arth dimvche sobd vaparl'le ami pollouyet. Punn aichea kallar utoll, pojdde ani doddea orthache sobd upeog korn vovio rochchi porigot asa. Hea vixim 41% lok somskritechi desvatt zata mhonn obhiprai ditat. 33% lok somskritechi desvatt zaina mhonntat, 15% lok vovianchi grestkai choddomvcheak hem ek sadhon mhonntat.

Soval 14: Aichea kallar vovio vers vaparl'leavorvim bhextto vell vibhadd zata mhonnchea xinnavixim tuji protikria kitem?

Zomoyil'lea nomuneant 97% patrdar amchea kazar sobannamni vovio vaparl'leavorvim vell vibhadd zaina bogar amchi apurv Konknni somskriti samballn rakon vhel'leabori zata. Axem hi somskriti amchea muklea pillgek kollit zata. Kareacho gourou ani sobhai choddta mholl'lli obhiprai ucharlea.



Soval 15: Vovio versachi Konknni somskriti uromvcheak ani muklea pillgek paumvcheak kitem koryet mholl'llea sovalak labhl'lim suchonam.

- Kareagar cholomvchem,
- iskolamni, vovio somskriti vixeant potthyokromant ovkas,
- Konknni sobann kareamni vovio kodd'ddai korcheo,
- voviamvixim moboil ap, siddi, ddividdi toyar korchem,
- samajik kareakromamni voviamvixim zagriti dizoi.
- Kristi bhavaddtachim sotam, voviamrupim xikounko proiton koryet,
- Konknni bhas ulounko xikon, vovio xikcheo,
- vaddeant zomati vellar hea vixim torbeti oni spordhe asa korche,

Soval 12: Koddeallant Canara Konknni katolik kristamv kazaramni/ sobannamni bhaddeak vovianchea pongddak va vyoktik haddn va siddi upyegkorn va pustokam polleun vovio gamvchem dison yeta. Hea vixim tuzo obhiprai kitem?

Axem kel'leurvim somskriti vibhadd ani vidrup zata mholl'llo zannteancho obhiprai. 31% lok somskriti pallizai mholl'lleakhatir, 29% somskriti rakon vorchekhatir 21% lok mareadikhatir ani 19% lok addomborakhatir axem kortat mhonn obhiprai ditat.

Q-12



somskriti pallikai mholl'llea khatir 31%
addomborokhatir 19%
somskriti rakon vorchekhatir 29%
moreadikhatir 21%

Soval 13: Adhunik voviamni utoll bhas mhonnje her bhaxenche vividh sobd vaparn, gailel'lea voviek zovab zaun tokxonn vovio rochchem amkam polleunko mellta. Hea vorvim Konknni somskritecho ani bhaxecho tarifo va desvatt zatagi?

Q-13



zata 41%
zaina 33%
voviam somskritichi grestkai choddta 15%
nennam 11%

Soval 10: Vovio sarkearitir suddhall gamvchea vyoktink puroskar, protsah gorz asa mhonn tuka bhogtagi?

Voviam somskriti uromvchea khatir vovio gamvchea vyoktink ollkon gheun tankam puroskar, protsah dimvchi gorz asa mhonn 91% lok obhiprai dita. Hea vorvim amchi tornattim vovio xikonk preronn ani torbeti zoddtelim mhonn obhiprai vyokt zala.



Soval 11 : Amchea Canara Konknni katolik kazar sobannamni kitlo vell vovio osazai mhonn tuji obhiprai?

Azkal amchea Canara Konknni katolik kazaramni monoronzonak, sumrgarak ani addomborak mohotv choddl'leavorvim vovio mhonnonk zaipurto vell na zala. Hea sovalachea zovabint fokot't 51% lok fokot't 10 minuttancheo vovio aslear puro mhonntat tor 19% lok 15 minuttam, 29% lok 20 minuttam ani 21% lok 30 minuttam zai mhonntat.



Soval 8: Vovio Konknni lokvedacho ek prokar, mhonnje tonddathaun tonddak ayil'lem tonddi sahity mhonn tum zannam-i?

Vovio odim thaun tonddpaxim ayil'lem lokved sahity. Hea vixim 83% lok mahet asa mhonntat tor 17% nennam mhonntat.



Soval 9: Malgoddeanthaun ayil'lea voviank tanchich mholl'lli ek rit asa. Tori atam hea adhunik kallachea talleank sorizaun, odlim utram bodlinastana gailim zalear somskriticho vibhadd zatagi?

Voviam somskriti rakchekhatir pattlea vorsamni mandd sobhann sumell pongddan vovianchim adlim utram toxinch dourn, tallo matr bodlun vovio rochl'leo asat. Punn lok 86% lok hea vorvim voviam somskriti vibhadd zata mhonntat. Fokot 9% matr hea vorvim somskriti urouyet mhonn obhiprai ditat.



Soval 6: Adim voviamni vaporl'lim oputt Konknni utram somskriti, sahiteachi gunddai, adhunik kallar ghoddl'lea voviamni dison yena.

Odlea voviamni oputt Konknni utram zhollkotat. Punn aichea kallar ghoddl'lea thoddea voviamni vividh bhasanche thodde sobd bhorson vovio rochl'leo asat. Asoleo vovio odlea Konknni somskritik tall poddonant. Hea vixeant 49% lok sohomot ditat ani 44% thoddea mott'ttak vhoi mhonntat.



Soval 7: Voviancho vapar choddounko ani somskriti urounko zagriti, torbeti, kareagar ani sonxodhon choloilear borem mhonn tuka bhogtagi?

Azkal voviancho vapar fokot rosachea kareamni matr dista. Kazaram holant zal'leurvim kazaracheo vovio aichea pillgek aikonk ovkas mellona. Axem mukar gelear kazaracheo vovio visron vecho sombhou asa. Dekun hea somskritecho fuddar samballcheakhatir 95% lok zagriti, torbeti, kareagar ani sonxodhon gorz asa mhonntat.



Soval 4: Canarant katolik Konknni kazar sobannamni vovio fokot't bailamni mhonnchi poristhiti distagi?

Konknni katolik kazaramni choddaut striyaninch vovio mhonnchi poristhiti asa. Tori 68% zonn dadleyi vovio mhonntat mhonn obhiprai ditat tor 31% striyo matr vovio mhonntat mhonn obhiprai ditat.



Soval 5: Vovio vers vhokle noureak budball sangunk, hogllik ucharunk ani il'le tomaxe korunk ek somskritechem madhyom' mhonnyetgi?

Hea sovalak 71% lok sohomot ditat ani 20% thoddea mott'ttak vhoi mhonntat. Axem vovio tornea kazari zoddeank samajik ani dharmik mouleam xikomvchem ek madhyom' mhonn optat.



Soval 2: Prostut kallar amchea Canara Konknni kristamv kazaramni voviank odloch mohotv urlagi?

Hea sovalak 66% lokanim Canara Konknni kristamv kazaramni voviank odlo mohotv thoddea mott'ttak matr urla mhonn obhiprai dilea ostam, mohotv urounko na mhonn 27% zonnamni obhiprai dilea. Fokot't 7% zonnamni odlo mohotv urla mhonn obhiprai dila. Hea mukantr kollon yetaki Konknni kristamv kazaramni adhunikoteurvim voviank mohotv unno zala.



Soval 3: Canarant aichea kallar Konknni katolik kazaramni adlea vovianchem oputtponn ya ovvolponn dison yena?

hea sovalak 52% lokan vhoi mhonnon protikria dilea. 41% lokan thoddea mott'ttak oputtponn samball'llam mhonn obhiprai dilea. Fokot't 4% lokan nhoi mhollam tor, 3% lokan nennam mhollam. Hea vorvim kollon yetaki atanchea Konknni katolik kazaramni adhunikoteurvim, voviamni her bhasanche sobd misllon, opobhronx zaleat mholl'llo spoxtt obhiprai asa.



Odhyai 11. Voviam Somskritivixim Somikxa ani Vixlexonn

Voviam versacho prostut vapar ani got somzon ghemvcheak xembor zonnank bhetton somikxa choloili. Hea somikxent orvas holl'llechea lokak toxench onyek orvas penttentlea loka mukantr somikxa choloilea. Hea somikxent tin vorg asl'le.

Poilo vorg: 16-30 vorsam, Dusro vorg: 31-60 vorsam, Tisro vorg: 60 vorsam voir.



Hea somikxent labhl'li protikria hea porim vixlexonn kelea.

Soval 1: Vovio amchea Konknni somskritecho ek mullavo prokar mhonn optai?

hea sovalak 74 zonnank vovio amchea Konknni somskritecho ek mullavo prokar mhonn zannvai asa mholl'llem spoxtt zata.



soukas mhonntat tor, modhyom' prayecheamni il'lem vegan mhonnchem kollon ailem.

Yuvozonnancho Vibhag

Xri John Monteiro Milar (49)

Xrimoti Lavina Monteiro Milar (43)

Xri Alwin Menezes Gantalkatte (42)

Xri Sunil Miranda Gantalkatte (42)

Malghoddea, modhyom' prayechea ani yuvo prayecheamni mhonnchea vovianchea talleamni zaito tofaut dison yeta. Tornatteank vovianche sobd tonddpaxim yenant. Ani tamnnim mhonnchea voviancho tallo ani utram amsori ritin mholl'lleavorvim nazukayent unneponn dista.

Prostut kallar kazara mattvant vovianchi porigot koxi asa mhonn somzon ghemvcheak kazaram mattvank bhett diun porixilon choloitana mhaka kollon ailem ki, hea samprodayik karea vellar fokot ros pustana mhonncheo vovio mhonnje rosak bosoitana, kanak tel ghaltana, hoklek, auy, bapoik, kuttmachea sandeak ani ayil'lea soireank ud'desun, ros pustana toxench nhannounko vortana mhonnchea vovianche prokar mattvant vaparl'le ason, oprubxem voviant zovabi vovio ghoddl'leo ason zaiteo pojddeponnacheo vovio tor, Konknnichem sobd sodun kon'noddo, inglix, hindi va tullu bhaxeche sobd ghaln aichim yuvozonnam vovio gaitat. Hanga vaparl'le dison aileat. Thoddea voviank zovabi vovio zaun mholl'lleo vovio ani noveo vovio aikonk mell'lleo.

Malghoddeancho Vibhag

Xrimoti Magdaline Aranha Gantalkatte (89)

Xrimoti Florine Fernandes Kinnigoli (89)

Xrimoti Evlin Monteiro Vamanjur (80)

Hea tegam-i malghoddeamni vovio mhonnchea ritint nazukai asa. Sobdanchi suddhallai ani gunddai ason, rongin tallean vovio mhonnchem mhaka dison ailem.

Evlinbayen mholl'lleo odleo don vibhin'n vovio axeo asat.

- Ami aileamv vovio gaunko nhoim jeunko, chear vovio gaun amchem arth pauvonko.
- Sokallim haddl'lea hoklek sanjer vorn pamvchem, itlem jevann kelam-i konnem jemvchem.

Vhoddilancho Vibhag

Xri Cyprian Pinto Gantalkatte (61)

Xrimoti Gretta Aranha Gantalkatte (58)

Xrimoti Gracy Lasrado Moodbidri (57)


Xri Anil DCunha hospett (53)

Hea modhyom' prayechea vyoktimni gamvchea vovianchea ritik ani malghoddeamni gamvchea voviam ritik vyoteas dison yeta. Vovie sobd uchchar korchea ritint toxench talleantyi thoddo tofaut dista. Malghoddim

Xri Victor mhonnta 'atanchi poristhiti pollelear vovio chodd kall uronant mhonn bhogta. Keul 50 vorsam voilim matr vovio mhonntat. Tornea pillgek bilkul hacho mohotv kollana oni hantu kosolich obhiruch na. Axem zal'lean hi somskriti mukarsun vortelim konn mholl'llem soval dhosta. Sobhai aschi tonddpaxim voviank matr. Bhaddeachea monxeank haddchem, siddi vaporcheo, buk pollemvchem va boroun haddn mhonnchem nattokxem dista. Kedallayi sondorbhak sori zaun vovio rochizai ani mhonnazai. Hea vorvim voviam bhonddar choddta ani vovio mhonnonk atreg choddta'.

Tannem ghoddl'leo thoddeo vovio hanga sokoil asat.

- Voulleanchea angar rong rong saddio, chond chond deddio amchea hoklek.
- Deddianchea matear ekki nam pint, kolgettache dant amchea hokleche.
- Horetachea tonddar french khadd mixi, ovnnum aili khuxi taka kazarachi.

10.7 Xrimoti Florinee Sequeira (90 vorsam prai)

Azkal vovio fokot rosa disa matr amchea bhurgeank aikonk melltat, kazara disa vovio aikonk mellanant mholl'll'llea sovalak Xrimoti Florine mhonnta adim vovio rosa disa anik kazarachea mattvant saddo nesoitana mhonntalim. Azkal lokakodde poixe zaleat dekun holam bhaddeak gheun kazar sobannam thoimsor zatat.

Rosa disa il'leo vovio ani oprub il'lo vers aikonk mellta. "Mhaka ubem ravonk zaina tori vaddeant ros aslear mhaka vovio mhonnonk apoun vhortat. Kodelar ugddasant asl'leo oputt adhleo vovio gaitam," mhonnta Kulshekarchi Florine bai.

10.8 Vovio Mhonnchea Ritint Tofaut

pradexik uchcharachea probhaun eka gamva thaun onyeka gamvant vovio mhonnchea ritint il'lo tofaut asa. Malghoddeamni vovio mhonnchea ritik ani atanchea tornatteamni mhonnchea ritik vyoteas asa. Dakleak,

zoxem gumttam Konknni lokvedacho prokar, tori matiechim gumttam poinnavella zagea thaun zageak sagsunk bhovo trasachem zata. Gumttam putton vibhadd zamvcho sombhou asa. Tea dekun foiborachim gumttam rochit korn gumttam somskriti uromvchem proiton kuddmeamni toxench ut'tor kon'nodd jil'leamni cholon asa. Vella kallak sori zaun, hi vyoustha somskriti samballunk ani hacho prosar korunk gorjechi.

10.5 Xri Adi Rego (55 vorsam prai)

bendurcho Xri addi Rego veapten ek beank odhikari. Taka aschem ek talent mhollear tokxonn sondorbhak ani vyoktik sor zaun vovio toyar korcheo ani gamvcheo. Heo vovio toyar kortana to mhonnta 'mhaka kuttmachi lagxilean vhollok asl'lea vellar tea rosa kareakromant hoklek va noureak va tanchea kuttmak sontosbhorit korcheo vovio ghoddtam. Punn mon dukomvcheo va khoddi kaddcheo vovio bilkul mhonnanam'. Dekik,

- viropponak polisamni ghalo gullo, jivant zala bhorti xembor kilo hokle bapoi tuzo.
- Sokallim utton vachtam hamv udoivanni, sttett beankantli ranni hokle auy tuji.
- Nonturchea kodri hilsant asa akaxovanni, Kulshekarchi ranni amchi hokal bai.

10.6 Xri Victor Lobo (61 vorsam prai)

Bajalcho Xri Victor Lobo ek famad Konknni karyem nirvahok. Ho manest vixes thoran rosachem karyem voviam- versamnich nirvohonn korta. Voviam vixim tacho onubhou he pori asa.

Voviamni adim asl'lo samskritik mohotv atam na. Atam adleporim vovio aikonk mellanant. Adim oputt konknnent ani sarkea tallean vovio mhonntalim. Tantum pojddim ani doddea arthachim utram vaparinatl'le. Tomaxe korcheant ek mit asl'li. Punn az vovianchea namvan khestamvam ghoddtat. Voviamni hokle, noureak ani kuttmachea sandeank mhon dukche sobd khonchey asonk nozo. Punn azkal monoronzonachea namvan hem sogllem zata.

Voviancho Konknni somprodai koso uromvcho mholl'llea sovalak

10.3 Xri Roy Castelino (59 vorsam prai)

Kulshekarcho Xri Roy Castelino kornattoko konkonni sahity okaddemicho maji adhyokx. Hache prokar aichea kallar kazaram holant zal'leurvim, kazarachea disa vovio porgott thoran mhonnonk aukas zaina. Adim mattvant gamvcheo striyo soglleo sangata veddo ghaln hoklek saddo nesoitana tankam zaito vell gorz asl'lo hea vella striyo sobar vovio mhonnonk ovkas asl'lo.Heo vovio mhonncho somprodai striyamni aichea kallar saddo nesomvchea kuddant punni gaun jivall dourizoi.

10.4 Xrimoti Irine Rebello (50 vorsam prai)

Xrimoti Irine Rebello, Konknni lokved somskriticho ek bhag zaunaschea voviam-versa vixeant chintap attoun labhl'leo vovio sangata ghaln tanchem vixlexonn kel'li kirt tika favo zata. Hinnem toyar kel'lo 'bhailean ailo vor' mholl'llo voviam vers songroh don pauttim chhapun aila (2007, 2008). Hea bukacho vapar borpur mapan hea sonxodhik pustokant zala.

Mandd sobhannachea adhin aschea 'sumell' pongddan adlea voviank novea talleamni sozoun ek novem rup diunko proyog choloila. Poilo prokar 78 tallar ani dusro 44 tallar asat. Hea novea talleachea voviamni sobd-sahity adlench dourun tallo matr adhunik kallachea pillgek posond zamvchebori bodlun 'noveo vovio' mholl'lli siddi bhair kaddlea. Ho pongodd samprodayik talleancheo toxench novea talleancheo vovio asokt asl'leank torbeti dimvcho vaur korun asa mholl'llem kollounko obhiman bhogta.

Hangasor ubzonchem sohoz soval mhollear vovio ek lokvedacho prokar, adim thaun vovio gamvcho ho prokar lokamni manun ghetla. Zor, samprodayik tallo bodlun novo tallo bosoilo zalear hem lokvedacho prokar zaun urtagi?

hea sovalak zovab zaun Irine Rebello mhonnta 'zor tor amchi grest somskriti, gitam gayanam va vovio vers amchea muklea pillgek, adhunik vella kallak sori zaun sahity bodli korinastana, akorxit songitak tall mellche rongin talle bosoun gailear ani mukaryi ballvonchea khatir hem proiton gorz asa.'

Kazarachea vovianche mull Gõy. Gõyant puddtugezanchea kallar konveddtor zal'le kristamv tanchea kazara sobannamni teoch vovio vapar korunk lagle. Tantu gonnopoti asl'lekodde jezu, santeri mham-i asl'lekodde kosesamv saibinn ya ruzar saibinn mhonn bodlun ghetlem. Dakleak,

- yejmanea raya kitem tuji chit, hachaki vortem gonnpoti devo dit.
- Koses mai yeta vatt zhaddea, gogar pattollem soddea tichye pam-i vattek.

Axem vovio dharall mapan uprant akhea Canarant ani her kodden pacharleat. Bap. Pratap ek voviecho daklo diun hea pori vivoronn dita.

Sokallim utton kellik ghal gobor, ghovageli khobor sangonaka auyger (sovear bostana)

hi ek arthabhorit, sadi vovi. He vovient hoklek ek zagvonni asa. 'tichea noureachea ghora kitem zata, kitem xijta va kitemyi choddunnem zata, tem kullara yeun sangunk nozo. Sanglear tea vorvim zhogddim zatat ani kuttmam modhem monostap ubzota'.

Az kalchea kristamv kazaramni voviancho mohotv unno zala. Haka kitem karonn zauyet mholl'llea sovalak ba. Pratap zovab zaun mhonnta 'atam kazaram holant zal'leurvim voviancho visor poddla matr nhoim, thoddekodde nanch zaleat. Gõyant kristamv kazaramni atam vovio nantch mhonnyet kiteak atam sadea lokachim kazaram-i holantch zatat'.

'hi poristhiti ubzolea amchea jiunache pod'dhotek lagon. Atam vovio zor khoim tori urleat zalear keul don rupar. Ek jeo kitem borpim rupar asat teo ani prayest striyam koddem asat teo. Punn malghoddeank odleo vovio atam uddasak yenant. Kiteak mhollear vovio mhonnche aukas most unne zaleat. Azkal pustokam polleun vovio mhonnchebori, adleo striyo mhonnanatl'leo. Tamnni mhonncheo tanchea uddasa thaun matr'.

Vovio pontattavixim ba. Pratap mhonnta 'noureagelim aplea noureachi vhoddvik va tachea kuttmachi vhoddvik gaitana, hoklegelim soddn dinatl'lim. Hoklechem, tichea kuttmachem, tichea gunnanchem vornnon tea voviam mukantr zatalem. Osoleo vovio boroun dourl'leo nasleo. Teo tea vellar virodh pokx kitem mhonnta tea prokar sondorbhak sori zaun ghoddcheo ani tokxonn zovabi rupar mhonncheo.

Odhyai 10. Voviam Somskritivixim Zanntea ani Malghoddeancho Obhiprai

10.1 Mo. Denis Moras Prabhu (79 vorsam prai)

monglllur diesejicho odlo vigar jeral mo. Denis Moras Prabhuvoviam vixeant ho obhiprai dita. Voviam versak amche Canara kristamv somajent ek vixixtt sthan dilam. Amche purvoz 16 vea xotomanant Gõy soddn koddeallak yetana Gõyche somprodai, podam ani lokved sangata gheun aile ani azun ho somprodai monglllurant jivo asa.

Rosavella, resperak bhair sortana, saddo nhesoitana, opsun ditana hokle noureak budball sangunk ani borem magonk vovio ek vatt zaunasl'li.Adleo vovio aikatana amchea malghoddeamni vinchl'lim itlim nazuk, arthabhorit utram aikateleanchi bhuk thamboitat. Vovio mhonnteleanche talle nazuk ason kareak ek vixes kolla astali.

Adlea kallacho to bhorm' ani nazukai aichea kallachea voviamni samballcheak kitem koryet mholl'llea sovalak monsinzor mhonnta 'eklean ek vovi mholli mhonnon oneklean khonchyai ek bhaxecho sobd kaddn, taka tall poddana zalearyi mhonntat. Osoleo vovio aikonk boryo laganant ani kosolem-i akorxonn bhogana. Asoli vaddaull amchea paromporik somprodayak vyotirikt zaunasa. Adleo vovio lokachea tonddant asat, teo vovio tech talle punn sondorbhatekid nove sobd ghaln rochlear vovio gaunko akorxonn yet'.

10.2 Bap Pratap Naik J.S. (68 vorsam prai)

Bap Pratap Naik J.S. Gõycho, konknnecho ek malghoddo sahiti. Hanchea pormannem hindu somajent tanchea samajik toxem dharmik kareamni vovio arombh zal'leo. Tea voviamni hindu devo deutancho ul'lek yeta ani noureak toxench hoklek zai ti budball, zannvai, mahet mellta. Hea vorvim tamnnim koso aplo fuddar cholounko zai ani koxem aplem kuttam' samballunk zai mholl'llevixim mahet mellta.

28) rukar ponnos pikla, tacher bhomvta chani, rupan dista ranni, hokol bai amchi.
29) dakam khunttun dakancho kelo vain, cheddeank martalem lain amchi hokal bai.
30) Gõyam vechye vatter, addvim tiddvim durga, vatte voilim vighnam nivar ga saiba.
31) ghorcho yejmani nesla munddu, jivan dista gunddu amchi hokal bai.
32) tint tinterant, poli govetant, hokal veta mhonna madri kovetant.
33) angleachi sobhai ximvkaran ximvcheant, bhogsanne dimvchant sodam za mukhar.
34) ambeachea fanttie vhodd vaddla ambo, ujvaddacho khambo horeta bapoi tuzo.
35) randvoye bhitor randvoi uddpichem gull, voktachem mull hokle mam-i tuji.
36) sakrin rongoilim fulam kekichim, borya dekichim za hokle xezaryank.
37) udkachea laramni bhoron gela doreo, mollba voilo sureo vhokle bapoi tuzo.
38) udkachea poipak zalo ek rondhr, mollba voilo chondr vhokle auy tuji.
39) lobangelea maddar gunddu gunddu bonddo, gunddu gunddu dedde amchea horetak.
40) zalant sukat ghaleat boddio, kuxin bosleat gunddu gunddu reddio hokle dheddio tujeo.
41) bomboichem boss yeun raulem khonddala, thodde pauttim soddta bonddolam hokle bapoi tuzo.
42) amchea ghora mukar tonn chorlam dhott'tt, golfachea poixeamni ghott'tt hokle bapoi tuzo.
43) ambo khaun ambeachi uddoili par, koddeallchem sttar amchi hokal bai.
44) amchea gotteant gab asat gayo, bara zamvdit bayo amchea hoklek.
45) hokal baye vodon tujem sobhit, dista madhuri dikxit hokle auy tuji.
46) gamvcho gamvkar bhumycho bhumykar, pott il'lem mukar amchea horetachem.
47) rosache mattvim xirotigi pan, dista xarukh khan hokle bhavo tuzo.
48) viropponak polisamni ghalo gullo, zamvom-i mhell'llo mhonn yejmani zalo xembor kilo.
49) moisurantlo rai ttippu sultan, jivan kusti poilvan hokle bhavo tuzo.

Odhyai 9. Zomoyil'leo Noveo Vovio

Edoll labhl'lea pustokamni chhapl'leo vovio voroun polleun, malghoddeank bhetton chhapinatl'leo vovio ott'ttuk korchem proiton hangasor kelam. Axem 50 noveo vovio zomo keleat.

Xoro: heo vovio noveoch mhonnon sangonk zaina. Thoddea voviamni adlea vovianche sobd toxench atanchea kallak sori zal'le sobd ani son'nivexam misllon asat.

1) sirvis koroi horeta ghora hoklek rakoinaka, sokallim sanjer tiche songim magnnem chukoinaka.
2) varyar soddle kes, kesank mall'llim fulam, vhiski ditam mhonnon yejmanean utar dilam.
3) manddeantlem udak thondd thondd pie, xohobbas mhonnon jie vhokle korddelant.
4) vhoreta baba golleant tujea sori, tuvem ghali gori az ruzu zali.
5) vhoret baban taslea apli mixi, sun mell'llea mhonn yejman zalea khuxi.
6) vhokal amchi bai khatali komrbolam, soddtalim bonddolam kazar zaina mhonn.
7) vhokal amchi polleunko dista bholli, tinnem gill'llea gulli jirgi mirsangechi.
8) vovio mholl'llim voullim vhoklek nhannounko vhora, heram jeunnak bosa, rat modhean zata.
9) voulleanchea angar rong rong saddio, chond chond deddio amchea hoklek.
10) ayil'lea soireank pattim dhaddinaka, flaittache poixe dilea xivai dhaddinaka.
11) ambo khaun ambeachi uddoili par, faleam yeta kar vhokle resperak.
12) amchea maddar asa pisondri, vhokal mell'lli chichondri amchea vhoretak.
13) roxeachea mattvant kott'tti, moddlam, pidde, pitt'tti pitt'tti dog dedde amchea horetak.
14) hata pamyank lailea tambddi mendi, vhoretak mell'lli hokal amchi chondi.
15) horetachea tonddar french khadd mixi, ovnnum aili khuxi taka kazarachi.
16) kanar khellta monachem moboil, gunnanchi mellta bail amcha horetak.
17) bollurche nhoint vorsak ek pauttim ter, xirancho dakter hokle tujo der.
18) donparanchea jeunnak xit, sar, tak, komixon vicharn kazarachem lek hokle boroun dour.
19) deddianchea matear ekki nam pint, kolgettache dant amchea hokleche.
20) Sokoleshpur yetana mellta xiraddi ghotti, namvcheant bhari pattim omcho voret bab.
21) okaxi modd mhonn dhornnik zalea xell, pireri kelea cholea tuka kanim tel.
22) ghora mukhlea rukar rosall ponnos piklo, koxtti jinnyen jiklo amcho horet bab.
23) yejmanichea hitlant zhoddar piklam annos, xegunnanchem konnos amchi hokol bai.
24) ros zalo, fugecheo futtoya, bendda vhajpan uttoya amchea horetak.
25) bhatacha raxi kombien dourlam tantim, vinchun kaddlam motim amcha vhoretan.
26) dhornnik marli khott, vonntik aili futt, ghorantlo ghutt hokle bhair ghalinaka.
27) respera uprant hoklek ghal jhelo, mogachea bapaik devan opoun velo.

- Bhitor ghal'li mandri bhair voddinaka, kenddun uloinaka tujea mam-i mamvak.

Zo: sokallim kaddl'lem dud sanjer zalem dhom-i, kenddun ulomvchi nhoim amchi vhokal bai.

- Ful bhangar malln matem zalem vojem, khoinchea gamvak dilem-i yejmanea bhurgem tujem.

Zo: koddiallchea gamvant vikunk ghala sambar, tumkam nangi khobar valensia dilem mhonnun?

- mukar yeta bonnko pattlean yeta konknno, utra fuddem denknno hokle mamvak tujea.

Zo: dhenknnom ghalo dekun dhorinaka monant, ghalinaka kanant vhokle vhoretachea.

- Lagxili nonnond yet zalear mittamirsangen vadd, poixilea nonddek xeutte randun vadd.

Zo: poixilea nonddek xeutte randun vadd, tevi pavanatlear vhoretak pagunk dhadd.

- Hatantlo tuvalo vatter golloinaka, bhachram ailear vankddem polleynaka.

Zo: panam khunttun pananchim kelim yennam, vankddem polleunko nenna amchi hokal bai.

- Avalleachea ruka mullant rompi kuvalleachi, derachea kazarak bavoz duvalleanchi.

Zo: hata voilem momv bottamni goll'llem, tuka koxem koll'llem duvalleanchi mhonn.

- Ghorcho petto porki yetana korta bovo, sumar vorsancho lou amchea hoklecho.

Zo: ximvkarachea angddi ximvonk ghalam anglem, tuka konnem sanglem bari adlo lou mhonn.

- Panam kovolln pananchi kelim yennam, ti lou kortana hamv polleun zanna.

Zo: sokallim kaddlem dud sanjer zalem dhom-i, tuvem kel'le borich tannim-kel'lem khoim.

- Kutt'tteantli sorpolli kutt'ttea bhitor, vhoretan soirik kelea ghuttabhitor.

Zo: novembrant kuddpa zata soxtt, vhoretan soirik kelear tumkam kitem noxtt.

- Paus ailo itlogi titlo, undir mutlo vhoulleanchea matea voir.

Zo: pausch ailo itlogi titlo, undir mutlo nhoi yejmanin ros lailo.

- Fulam vorchea karminna hadd ek dalem, madrink vechem cheddum kazar koxem zalem?

zo: iskolachea bhurgeanchem sobhta rongall anglem, madrink vechem cheddum mhonnon tuka konne sanglem.

- Amchea ghorauyr andonnechi talli, kalleantli kalli horeta hokal tuji.

Zo: ek mutt bhatachi bhazun kaddli lai, itli kalli zai amchea horetak.

- Ekch pil mhonnon kombi dholoita, tonddak ayil'lem uloita horet amcho.

Zo: magho masant subrohmonnyo xoxtth, horet uloilear tuka kitem noxtt.

- Donparanchea nisteak mitt tikke chappe, kanant keppem amchi hokal bai.

Zo: madrim bhitor madr amchem sisil bai, hokal keppem mhonnteleanchea jibek zamv ghai.

- Sopear ghalim panam hatar dhorunk yena, ekki vovi nenna vhokle auy tuji.

Zo: vhoklechi bhoinn namv maddtin, yejmaniche paddtin hamv vovio mhonntam.

- Sunek sodhunk mhonnon yejman tin gamv bhomvli, saddo molaitana tichi tokle ghumvli.

Zo: poltoddi doreo altoddi nom-i, sokkodd mamyank ghumvl'lea bori tikai ghumvli khoim.

- Hanga ghal'li bazu bidream vochon kadd, chodd unne ailear bapaik sangon dhadd.

Zo: ghora pattim guddo guddea pattim ghatt, sangon dhaddxi zalear horet foddit patt.

- Tornem moddal koiten benddinaka, kazar zatoch mam-i nondd'ddank kenddinaka.

Zo: pausa kallar bhumycher ful'leat ferge, toxem korchem nhoim bhurgem amchi hokal bai.

Zo:addsar narl barik kant churo, titlem kelear puro amchea vhoklen.

- Remvall gadeant natneachim goddam, kitlim laglim pauddam mamyk vop kaddunk?

zo: remvall gadeant natneachim goddam, 13 laglim pauddam mamyk vop kaddunk.

- Ixedd'ddacho ambo dhaddaun pikoinaka, veglle ravea mhonn vhoretak xikoinaka.

Zo: dukrachea masak marlo ek koito, vegllo ramvcho kaido amchye hoklecho.

Odhyai 8. Vovi Pontatt
(Gayil'leavoviek Zovab Zaun Vovi)

Adim rosa mattvant vovio sangtam sangtam don paddtim modhem voviam pontatt choltalo. Eka paddtichean ek vovi sangli tor taka zovab zaun tokxonn anyek vovi thoinch ghoddn sangtalim. Hea spordheak vovi pontatt va vad vivad vovio mhonntat. Hangasor rag-dvex na bogar monoronzon ani vovio mhonntaleanchi budvontkai parkuncho matr amchea malghoddeancho ud'dex zaunasl'lo.

• Rukar pikla ponnos mullim poddtit bhiknnam, oykanaka xiknnam horeta hoklechim.

Zo: Iobangelo cholo gunnancho fergo, xiknnam aikoncho noim bhurgo amcho horet bab.

• Gordanachea gotteant sobhai ditat goulli, bhurgim zamvdit zoullim amchea hoklek.

Zo: ghorachea pakear kaullo korta kaka, zoullim zalear ek mhaka, ek tuka.

• Kailir ghal'lo pollo korpon kallo zalo, vhoretan marlo dollo amchea vhoklek.

Zo: koddeallche penttent vikunk ghalam anglem, dollo marlo mhonnon tumkam konne sanglem?

• horet amcho bab ambadde daddaitalo, kazar zaina mhonnon amkam heddaitalo.

Zo: tannem dhaddailele ambadde amim daddamvche noim, voulleanim chiddamvchem noim Amchea horetak.

• Halon dholon pattear damvta roil, bhari korta sttail hokle bhoinn tuji.

Zo: rannyechea mukuttak sobhai dita thik, sttoil korchem hokk hokle bhoinnichem.

• Mandri soddoun mandrer dourlem uxem, konnem kelem pixe hoklek kazarachem.

Zo: bhat boddoitana ubli bhatachi kus, prayechi dos tuka zal'lea borich.

• Bhitorlea kuddant mazargi host, sodam piddest vhokle mam-i tuji.

Zo: mam-i piddest mhonn naka korunk chinta, lagsar dakter asa vokot diun borem korta.

• Limbo katrun kelem xorbot, doulotecho komblo amcho horet.

Zo: ambo tasun ambeacho kelo kochor, doulotecho komblo mhonnon tumkam kiteak mosor?

• haddank marunk koito masak ghalunk xirko, poilo zamv cherk amcheahoklek.

Zo: Milar marli ghantt, ruzai zali ttamv, cherko zalear zamv pilead zoddtam ham

osreant dourunk proitn korchem va tankam sanddun vingodd ghor korn ramvchem sarkem nhoim. Axem kelear devacho axirvad tankam bilkul nam mholl'llo sondex hea vovient asa.

Dekun kedea unchlea mott'ttachea cholielagim logn zaleari, putan tachea auy bapoik adhar dizoi. Sunen aplea mam-i mamvak tankam mogan pollezai. Prayest auy bapoi ek vojem mhonn chintun tankam holk korn tanchem mon bilkul dukhounko nozo mhonn hi vovi putak chotrai dita.

4) sokallim utton kellik ghal gobor, ghovageli khobor sangonaka auyger.

Kazar zalea uprant choliek aplea noureachem ghor xaxvit. Adlea kallar auy bapoi kazar zamvchea aplea dhuvek hea vixim sarki somzonni ditalim. Kitem koxtt, monastap, chuk chintap, arthik addchonn, piddaxidda aileari kazar zal'lea cholien apnnak zayina mhonn kullara dhamvon yemvchem oprupxem aikonk melltalem. Asolea agadh sodddodd, somzonni ani somorponnachea spiritan jiemvchea kazari striyek jinnyeche koxtt fudd korunk torbeti melltali. Dekun mhonn dista, odlea kallar logn vichchhedon mholl'lli gozal aprupxem aikonk melltali.

Punn azkal odhunik kallachea voseak vollog zaun chil'lor karannank lagon kazar zal'li choli aplea noureak sanddun kullara yeun boschem ani haka aichea adhunik vhoddilamni svarthi monobhavan 'noureachea ghora pattim vochanaka, amchea ghorach ravo' mholl'llea monobhavan astana logna vichchhedonak porokx thoran protsah dil'lebori dista.

Adlea kallar zortor kitem somosye zaun choli kullara vochon aple somosye sangat zalear ovoi bapoi dhuvek somzonni diun pattim dhaddtalim. Hea vovient kazar zal'lea hoklek aplea noureachea ghora kitem-i choddunnem va monostap ubzalo zalear va kitemyi il'li iza sosunk mellta tem sogllem kullara vochon sanginaka bogar tujea noureachea ghorach sodddodd korn jieunko ulo dita. Ani zortor noureachea ghora zal'lo monostap kullara vochon sanglear, zhogddim, monabhed ani virodponn zatelem mholl'llo hixaro hi vovient hoklek mellta.

sodhun kaddn va tachi patt dhorn dhamvddamvn randun zamveak sonman korchi rivaz. Hea vellar amkam bhurgeank kunkddachi ek podd ani polli oprup mellta mholl'lli khatri. Sangatach mamvan manachea soireank mhonn dhorni ponda purn dourl'li oputt kazuchi kaldi tea dis matr bhair yetali. Zortor zamvoi toull toull ailo zalear osolo man taka melltave? dekun hea vovient lagim mamvaddo mhonnon vhoreta sodam vochonaka, tum sosar zatai mholl'llo sondex spoxtt asa.

Toull toull mamvaddea gelear zamveak boro man diuna mhonn xinn bhogcho sohoz. Chil'lor, antorik toxem voyuktik vixoi odol bodol zaun kuttmanchea ekvottak marekar zata. Mamvaddea thoimsor randl'lem khaizai poddta. Sagollechea kuttmamni kitem-i her randvoi va itor vostu mellanatl'lea vellar tottant ghoddayachim kellim mottim poddazoi mhonn bonddi moddtat ani ti bonddi randun nisteak upoyog kortat. Toxench ghoddai zun zalea uprant kemllbo katorn tachim falletam kaddn tacho bonddu vingodd kortat. Haka kanddi mhonntat. Hi kanddi nisteak upoyog kortat.

Dekun hea vovient ul'lek kel'lebori mamvaddea kaim her vostu natl'lea vellar, kanddi bonddi zor randun vaddlear ghora yeun mamvaddeacheank holk korchebori 'kanddi bonddi randun vaddli' mhonn sanganaka. Kiteak, sanglem zalear hoklek okman zaun unneponn zata. Aplea auy bapoik hinnsilem mhonn monostap ubzonk sadhy asa. Songim hoklechea kuttmachi moread unni zata. Dekun toull toull mamvaddea vechea nourean, mamvaddea kanddi bonddi va her kitemyi unnea mott'ttachem randop keleari aplea baile mukar ani kuttmachea sandeam mukar unchlea mott'ttachem jevann korn sonman kel'lebori xabhaski ucharlear ghova baile modhlo toxench kuttmam modhlo sombondh vrid'dhi zata mholl'llo gundd sondex hea vovient attapun asa.

3) kazar zaloi mhonn vhodd zainaka, auy bapaik vhoreta sanddun ghalinaka.

Kazar zatam mhonnasor ek cholo/choli aplea ovoi bapaicher ovolombit astat. Kazar zata mhonnasor put kitloyi vhodd, budvont va namvadd'dik zamv, auy bapoik to putchch. Kazar zalea upranti hea putan opunn otam vhodd zala, budvont zalam, namvadd'dik zalam mholl'llo honkar va rubavo dakhounko nozo. Utor prayek pavol'lea aplea auy bapaik kazar zalelea tornea zoddeamnim choddit zoton ghezoi. Tankam vidhey zaizai. Utor prayer apli auy bapoi ek vojem mhonn chintun tankam

tosole xampu va sabu toull mellanatl'le. Dekun ghorcheo zazavo pongtir sangata boson ekleachea matear ascheo uvo anyeklen marchem sobhit chitronn hea vovient attapun asa.

Aplea matear asl'leo uvo apnnak disanant dekun apnnem teo marunk zainant. Hea vella dusreancho adhar gorz asa.

Ekameka mogan, sodddodden, hondvon, ekech auychea bhurgeambori jielear eklean zainatl'lem kam' anyekleachea sohokaran solisayen koryeta. Hangasor 'hamv', 'mhojem', mhonn sangun voyuktik vingodd chintap ailem zalear, kuttma modhem vanttefantte zatat ani sohokar labhana. Dekun svarth ani voyuktik boremponn sanddun, sohokaran, eka auychea bhurgeambori jielear hem somsari kuttmant sorgincho onubhou zata mholl'llo sondex hoklek hi vovi dita.

2) 'lagim mamvaddo mhonnon vhoreta sodam vochonaka. Kanddi bonddi randun vaddlear ghora yeun sanganaka'.

Adlea kallar amche malghodde soirik sodtana, aplea gamva lagsili va soiream modli sodhinastana bogar poisil'lea gamvchim soirea dhoiream bhaili sodun kazar kortalim.

Poisilo sombondh sodlear gadea sagollichem kam' somplea uprant (attint) va festa porbank kazari striyamni thoddea disank aplea kullara vochon ravon pattim vechem aukas asl'le. Hea vorvim toull tosolea dhuvank chodd sonman ani gourou aplea kullara labhtolo.

Oprupxem sezara ixttagot zaun va soirik sodhun kazar zal'lem asator asolea sondorbhar hoklek oplem kullar ani noureak aplo mamvaddo lagim osa dekun toull toull kullara/mamvaddea vochon yemvchi voddni bhogta. Axem kullar/mamvaddo sosar zata.

Hea vovient, noureak ul'lek korn, lagim mamvaddo mhonnon vhoreta sodam vochanaka, kiteak, toull toull vechi tor sosar zatai ani oprupxem gel'leavella mellcho man mellana.

Dekik, hem chintap attoitana mhozo uddas sumar 45 vorsam patti dhamvta. Mhojea vhoddlea bhoinnicho ghovo mhonnje bhavoji oprupxem vorsak ek ya don pautti mamvaddea yetalo. Sanjerxem yemvchea bhavojik polloun amkam bhurgeank bhari sontos. Kiteak to yetastana kosolem tori khann bhurgeankhatir haddun yetalo. Dusrean zamvoi monis oylo mhonntana manacho soiro ayil'lebori. Dekun zogasannen posun dourl'lo gamvtti kombo (kunkadd) tea disa sanjer ghuddant thaun va rukar thaun

Odhyai 7. Voviamni sondex

Amchea purvozamni tanchea apar zannvayen ani onubhovan rochit kel'leo vovio don fongtincheo tori tantum attapleleo songti, sondex, gundd chintpak ani niallak aukas korn dimvche tosoleo.

Odli ek sadi vovi gheun ticher ghontteagottlean vivoronn diun niall koryet title vixal ani jinnyek arthabhorit sondexan bhorleli zaunasa.

1) 'dogi tegi zazavo sangata boson maream uvo, aichean zaleamv dhuvo ekye auyicheo'.

Aichea kallar amchim kuttmam bhovo lan (Nuclear family). Punn adlea kallar amchim malghoddim zodd kuttmam (Joint family) pod'dhot palltalim.

Eka kuttmant azo-aji, auy-bapoi, tanchim bhurgim, put-sunom, natram, ponnturam, xennturam mhonnon sumar 30-50 zonnam eka pakea ponda jietalim. Hea kuttmant malghoddo monis yejmanponn choloitalo. Sagolli jiun adayak ekch vatt zal'leurvim, eka kuttmant chodd zonnam sangata aschem vajbi ani krixi vrit'tek purok. Tea dekun horyeka kazari zoddeak choddaut unnear unnem 8-12 bhurgim astalim. Cholio kazar zaun noureager vetana put kazar zaun sunank ghora haddtale. Eka pakea bhitor jietana svarthponn, oblexi ani voyuktik chintap degek dourn, mogan, ekvottan, sodddodd korn somudayik chintpan jieunko hor proiton kortalim.

Hea voilea vovient 'dogi tegi zazavo'

hangasor zazavo mhollear bhabhavancho bailo. Vividh kuttmam thaun, patt bhum-i thaun, arthik sthitethaun, olog chintpa thaun, pradexik mullathaun, logna sombondha mukantr eka kuttmache sande zatat ani axem eka auychi bhurgeambori zaun jienastana nirvog na.

'sangata boson maryam uvo'

odlea kallar lokak nitollayechi zagriti unni asl'li. Dispoddtem bhoracho vaur korizai poddtalo. Narlel tel pusun datt toxem penktta sokoil mhonnasor lambche kes bailanchea matear sobhtale tori vaur kortana mudo korn xenddo ghaln amrdun bandizai asl'le. Hopteak ek ya don pauttim va sonvarachem matear namvchi dostur asl'li. Hea vorvim tanchea matear uvo (oiichhie) zamvche sombhou chodd asl'le. Matear zal'leo uvo sulobhayen ugoun kaddunk zainant. Aichebori uvo nas korche

Mam-i	putak tachea bailechi auy dhuvek tachea noureachi auy sunek tachea ghovachi auy zamveak tachea bailechi auy
Pagur mamv	mamvacho bhavo
Pagur mam-i	mamvachea bhavachi bail
Mivnno	bailecho bhavo
Mivnni	bailechi bhoinn
Bavo	ghovacho vhoddlo bhavo
Bhavoz	bhavachi bail
Voni	voddlea bhavachi bail
Der	ghovacho dhaktto bhavo
Zavo	ghovachea bhavachi bail
Nonnond	ghovachi bhoinn
Nonddayo	Ghovachea boinnicho ghov
Bhavoji	bhoinnicho ghovo
Bhavo	bhoinnik auy bapoicho put
Bhoinn	bhavak auy bapoichi dhu
Datt'ttu	vhoddlo bhavo
Bai	vhoddli bhoinn
Bhacho	bhoinnicho put
Bhachi	bhoinnichi dhu
Putneo	bhavacho put
Dhuvddi	bhavachi dhu
Natram	putachim / dhuvechim bhurgim
Ponnturam	putachea putachim / dhuvechea dhuvechim bhurgim
Xennturam	putachea, putachea, putachim / dhuvechea, dhuvechea, dhuvechim bhurgim
Kumpadr	bapoik / auyk aplea bhurgeachem pilead zoddl'lo dadlo
Kumadr	kumpadrichi bail/pilead zoddl'leachi stri
Podorn	pilead zoddl'lo dadlo
Modorn	pilead zoddl'leachi bail/ stri
Pilead	pilead zoddl'leak pilead zoddl'lo cholo / choli
Saddu	bhobhoinneanche ghovo
Bhamvddam	ghovachim/bailechim bhavo bhoinnim
Bhachram	ghovak oplea bailechim/bailek oplea ghovachim bhavo bhoinnim

- bhair bhitor vetana pamyank yeti voddi, bori kor koddi hokle bhaveank tujea.
- hatantlo tuvalo vatter golloinaka, bhachram ailear vankddem polleynaka.
- sokallim utton hatant dhor dor, tum khoim vetai zalear nonddank apoun vhor.
- xer ghalche kodden ordho xer ghai, mulkecho nonddayo ailear buddkulo vomto ghal.
- akasacher ubta ghonn, falea yeta sun ghor ujvaddaunko.
- damaskache sotri bhangaracheo golleo, sotretholla rannio vhoreta bhoinni tujeo.
- Milar marli ghantt, ruzai zali ttamv, cherko zalear zamv pilead zoddtam hamv.
- doreant nachta tem uchamboll lhar, faleam yeta tar hokle tujea bhavachem.
- yejmaneachea ghora mukar kazuchi fadd, borem magon dhadd hokle bhamvddank tujea.
- adall'llem bott usall'lli kat, ajien posul'li nat amchi vhokal bai.

Bohuxea konkonni somskritechea bandaullint asche title sombondh rupit sobd her khonchayi bhaxent aschenant toxem mhaka dista. Dekun hangasor mhaka labhl'le sombondh suchok sobd ani tancho sombondh hamvem hanga ul'lek kela.

Sombondh suchok namv	**sombondh**
Xennzo	ajeacho / ajiecho azo
Xennji	ajeachi / ajiechi aji
Ponnzo	ajeacho / ajiecho bapoi
Ponnji	ajeachi / ajiechi auy
Azo	bapoicho / auycho bapoi
Aji	bapoichi / auychi auy
Bapoi	zolm'datar (dadlo)
Auy	zolm'datar (stri)
Bapleo	bapoicho bhavo / auychea bhoinnicho ghovo
Mauxi	bapleachi bail / auychi bhoinn
Maullo (mam')	auycho bhavo
Mavolln (mami)	maulleachi bail
Akoi	bapaichi bhoinn
Put	auy bapoin zolm' dilolo
Dhu	auy bapoin zolm' dileli
Zamvoi	dhuvecho ghovo
Sun	putachi bail
Vey	zamveancho / sunecho bapoi
Venn	zamveanchi / sunechi auy
Mamv	putak tachea bailecho bapoi dhuvek tachea noureacho bapoi sunek tachea ghovacho bapoi zamveak tachea bailecho bapoi

6.22 Voviamni Soro

Monxea choritrent soryak tachench mholl'llem sthan asa. Thoddea sondorbhamni manacho tor her thoddea sondorbhamni aumanacho. Amchea malghoddeancha jiunant soro promuk patr khelltalo. Sogllo dis vaur korn puro zal'leank sanjer ek kutt'ttem soro jivak ul'las ditalo. Kazar sobann, festa porbamvella soro sombromacho toxem monoronzonacho sonket zatalo.

Soro ukddunk nirbondh asleari guttan kazar-sobannam, fest-porbe kareak poilench gorje purto soro toyar korn dhornni podam lipoun dourtale. Rosa disa vojim vauvn mattvak haddl'lea daijeank manacho sonket zaun guptim ek botl soro dimvchchi rivaz asl'li. Toxench kazarak jevann, rosa uprant ratim toyar korunk asl'le. Roxeant vaur kortelea dadleank guptim soro dimvcho asl'lo. Kazara disa, onkul asl'lim kuttmam pongter jeunnavella vhoddank soro vantt'talim. Bohuxa hea karonnaurvim voviamni soryakyi zago dila tem hea sokoilea voviamni kollta.

- Amcha ghora mukar samperichem ran, yejmani soro dita vhoddlea tambleran.
- Rosachea mattva maullean dhaddla soro, jeunnak vell zalo veggim vanttlear boro.
- Itle vers gaun tallo amcho poddlo, viski, branddi, soro, amkam dimvcheak poddlo.
- Vorann haddun yetana uddleamv ami doro, toyar kora soro atam vhor sudraunko.
- Amchea hea rosak sorya battleo bara, toyar doura dimvcheak voulleank.
- Amcho yejmani, nhesla chokrachem puddvem, suresoreachem korvem hokle bapui tuzo.
- Ayil'lea soireank patti korinaka, kaldi dilea xivai bapaik dhaddinaka.
- Amchea ghora mukhar andonnecho sop, soryacho zop amchea vhoretak.
- Pattir soddle kes, kesank mall'llim fulam, viski ditam mhonnon yejmanean utor dilam.
- Rosak ayil'le voulle bankar mandrer bosa, tallo bhizomvcheak aputt kazucho asa.
- Itleo voveo mhonnun tallo amcho poddlo, kazucho dimvcho yejmani khoimsor lipon boslo?
- bhitorlea kuddant dourlea baldi, poili di kaldi amkam daijeank.

6.23 Voviamni sombondh rupit sobdaull

Voviamni dharall mapan sombondh suchok sobd ul'lek kel'le amkam dison yetat. Dekik,

- Mamyk polleun bhie hokle mamvak polleun loje, xabhas mhonnon jie faleam koddeallant.
- Avalleachea ruka mulla rompi kuvalleachi, derachea kazarak bhavoz duvalleanchi.
- Yejmanichea humbrar vhodd asa pagor, bhovo asa adhar vhoreta mivnneancho.
- Heavi soirikek natl'lem amkam guman, maullo asa zoman hea soirikek.
- Heavi mattvant baple tuje mhal, tujea bapaicha khal bapleo ros laita.
- Dogi tegi zazavo sangata boson maream uvo, aichean zaleamv dhuvo ekye auyicheo.
- Vhoddilamni sanglam amkam, ami sangtamv tuka, nyai zhogddem naka amkam zazavank.

Voileo vovio vixlexonn kelear hantum pras, olonkar ani chhondos, tall disana. Dekun vovianchem rup hantum vikarlam.

- Poilyechem namv rojlin, dusryechem namv anjelin, tisryechem namv zakin.
- Mam-i askot sun vengbhor, pampallean yeta mamycho hat dhor.
- Aixeanchem soddlem lokxanchim nhesli, regam gelixi disli amchi hokal bai.
- Ubar ghor sokoil paketti, ghorak zoketti mamyn sun keli.

Voileo vovio vixlexonn kelear hantum pras, olonkar ani chhondos asa. Punn vovianche rup vikar zalam.

6.20 Nitoll Voviam Somskritent Pojddeponn

adlea kallar ros va saddo nesomvchem karyem striyo manddun haddtaleo ani dadle mattvant vyoustha ani jeunnachi sorborai korcheant mogn astale. Azkal kareamni hol, karyonirvahok, songit, sumrgarai, vojim, kettoring ani soglli vyoustha kontrattak voisun ditat astam dadleank samskritik kareamni vantto gheunko zaito vell mellta.

Hea vorvim vovio mhonnchea kareant dadley meter zatat ani somskritichi sobhai choddoitat. Punn thodde dadle hazor asl'leanche gomon voddchea ani hasomvchea niban pojdde sobd voviamni bhorsunchem proiton kortat. Hea vorvim Konknni somskritechea grestkayek kuradd marl'lebori zata.Dakleak,

- amcha ghora pattim oboleachem kandd, dogam ghovanche randd hanga vovio gata.
- Aiche ratik nid bori kadd, falea ratik noureak ugtem sodd.
- Poddim bhitor poddi ambeacheo poddi, honimunak ya mhonn hokal vot'tai kori.

6.21 Vovianchea Sobd, Rup ani Arthant Bodlaunn

Vovio ek lokved somprodai. Voviancho ghoddnnar konn ani kedalla mholl'llem ami nennamv. Vovio tonddi sahity zal'leurvim vella kallachea probhavan ani sobd uchchar korchea vyoteasan vovianchem sobd, rup ani arth bodolta. Dakleak,

- kanim tallve tel ghaln bosoilam monnier, besamv diunko yege sorginche virzamaye.
- Kanim tallve tel ghaln dourlem monnie, besamv di rannie sorginche virzamaye.
- Apros yejmanichea kanknna, dak zalea pattnna, hanga ros mhonn.
- Apros yejmanichea kanknna, zag zalea pattnna, hanga ros mhonn.
- Sokallim kaddl'lim fulam sanjer baulim, almam paulim heavi rosalagim.
- Sokallim malll'lim fulam sanjer baulim, almam paulim heavi rosalagim.
- Resperak veta vhoreta dosturechea dorbaran, pattim yetana ye vhoklechea sangatan.
- Resperak veta vhoreta dosturechea dorbaran, pattim yetana ye kosturechea pormollan.

6.17 Itihasantlea Ghodditam Vixeantleo Vovio

amchea malghoddeank xikap natl'lem tori itihasa vixeant borichch somzonni asl'li. Heo songti amchea voviamni amkam aikonk melltat.

- Ttippuk ani inglezank zali ti loddai, bomgalle ghoddai hea vozam voir.
- Ikkerichi ranni chen'nom'mo zhozant ghott, mamva mukar hokle chukoni marinaka fott.

6.18 Her Bhaxenche Sobd Vaparl'leo Vovio

Konknni somskritechea lokved sahiteant konknnechem opurv sobdam bhonddarch lipon asa. Bhovo nazuk toxench oputt Konknni sobd hea sahiteant amkam dharall mapan vachunk melltat. Odlea voviamni osole nazuk Konknni sobd ani pras asche amkam kollta. Tori azkal konknnent prasobhorit sobdambhonddar natl'leaborim prasa khatir tullveche, kon'noddache, inglixache ani hindeche sobd vaparn vovio mhonnchem aichea kazar sobannamni amkam dista. Hea vorvim Konknni sahity ani somskritecho vikar ani opobhronx zata mholl'llem hea sokoilea voviamni kollta.

- Kon'noddan randvoyek mhonntat torkari, sodam purpuri hokle mam-i tuji.
- Inglix bhaxen poixeank mhonntat moni, sokkodd bhangara borabor vhoretachi koriamonni.
- Tullvye bhaxen kurlek mhonntat denji, bhovo asa nonji vhoreta mivnne tuje.
- Tullveam bhaxen mirsangek mhonntat munchi, koriyomonni unchi vhokle vhoretachi.
- Tullvye bhaxen muskak mhonntat nurge, visronchem nhoim bhurgem amchem hokal bai.
- Tullvye bhaxen kullttak mhonntat kuddu, kollxyen mejla duddu hokle bapain tujea.
- Tullve bhaxen duddvak mhonntat kas, il'lem ailam mas amchyo hoklek.

6.19 Vikar Vovio ani Arth Natl'leo Vovio

Malghoddeamni ghoddl'lea voviamni bhovo apurbayechem Konknni utram bhonddar, pras, chhondos ani arth sompurnn ritin misllon asa tem amkam dista. Punn heo sokoileo thoddeo vovio vixlexonn kelear, kollon yetaki samprodayik vovianchem rup, prokar ani pras hantum nant. Hea voviant sarko arthyi mellana. Zaunko puro ekch tonddpaxim vovio eka tondda thaun onyeka tonddak paxar zatana sobd visron, mull sobd bodlon ortharohit zaleat va vovianchea amuly sahiteachi zannvai natl'leamni heo vovio ghoddl'leborim dista. Dakleak,

- vis vorsam bhorlim vhoreta tujea angim, az zali khuxi tuka kazar zamvchi.
- Apros ros bankar tinam boro, monan dhadoxi hokle auy tuji,
- hadd yejmanea vhoretachi toddop, toddpik lailea zorkayi bhangarachi.
- Poilyechi zavo anno mhonnon dusryechi zavo pauli, tisryechi zavo chondr sureo.

- Ambear zalem tor ani borik zalem bor, vhokal nenntem por, vhoreta zoton kor.
- Sokallim randl'li pez sanjer zali xelli, zonelantlean tilli hokle auy tuji.
- Put'turcha penttent vikunk ghala povo, tuka na ghovo tum vogechch ravo.
- Doreachea lara ubon geli kholi, fidal'lanchi choli amchi vhokal bai.
- Horeta baba thoddo nes doddi, dot thoddi tori hokol kullien bori.
- Ayil'le male, patt porton gele, pamyxi rupoi choddoun ajien apoyile.
- Pamyank lailim chinelam, vonnttik marlim painelam, dot bhair vochonk soddlinam hokle auyn tujea.
- Bentinnichi dori kalligi gori, dot thoddi zaleari hokal mell'lli bori.
- Bara voraha dot horetachea manak, hoklechea gunnank ami soirik keli.
- Amchea hitlant lailea dudinn, bhurgeabudin dogam-i kazar zalim.
- Haddank marunk koiti masak ghalunk xirko, poilo zamv cherko amchea hoklek.

6.16 Arthik Poristhiti ani Vovio

Amchye malghodde krixi prodhan veapteche. Konknni katolik kristamv krixent helll'le ani minot korche mhonn somzon Gõyanthaun monglluràk ayil'lea kristamvank konkonn koraullechea tunddu rayamni, astidaramni tanchea xetamni gennik ghollonk aukas dilo. Konknni katolik kristamv dhoniak genn diun minot kaddn tanchem jiun sartalim.

Tea kallar kuttmant bhurgeancho sonkho chodd asl'leurvim tankam poscheakhatir, dispoddtem choddit minot korizai poddtali. Kam' na zalear jeunko na mholl'lli poristhiti asl'li. Hea vellar tanchea mukhlea jiunak kaim tori uromvchem trasachem zal'lem. Choli bhurgeak kazar korizai zalear doticho demvchar tankam dostalo. Hanche modhem kaim thodde bottamni mejche title grest Konknni kristamv asl'le. Asoli arthik poristhiti hea sokoilea voviamni dison yeta.

- Ek rupoi dilo, suta oni suvek, yejman kazar korta malghaddea dhuvek.
- Kasan kasailem ruven punzailem, sokkodd khorchon gelem dhuvechea kazarak.
- Bayek kazar mhonn pattli bhoinn hasta, duddvamni kusta vhokle mamv tuzo.
- Pauschch yevun udak zalem vhalla, koxttant poddlo balla bapoi tuzo.
- Payank ghalina vhann, pottak khelem na khann, asem kelem dhon vhokle bapain tujea.
- Bara pauttim uttlo yejman bara pauttim boslo, saddo molaitana munddu tacho suttlo.
- Prayen Ihan vhoret daddin vaddlo, duddvache axek bapain forin dhaddlo.
- Vhoretachem ghor maddamaddyent, vhoretan zoddl'lo duddu koroleam saddienk.
- Dallichea sarak yejmanin dilem ponn'nn, dhuvechea kazarak bapain kaddlem rinn.
- Ughoddoli pett pormolloli kostur, rayangeli dostur amchayejmaneachi.

Kuttmamni zodd kuttmam pod'dhot asl'leavorvim novea hoklek poixilea gamvant noureachea ghora mamv, sasumam-i, nonddo, nonddayo, der, zazavo mhonnon zaitim zonnam astalim.Hea sorvam sangata monastapak, loddayek, guspaddayek, xikounneank, aspod dinastana hoklen sodddodd korn, sosnnikayen, sudarsun, hondvon jieunko xikozai. Toxench horetanyi haka sohokar diunko zai. Doni kuttmancho sombondh boro dourunk asa. Hem sogllem hea voviamni kollit zata.

Choleak-

- kazar zaloi mhonn vhodd zainaka, auy bapaik vhoreta sanddun ghalinaka.
- Bhitor ghal'li mandri bhair voddinaka, kazar zalai dekun vhoddilank kenddinaka.
- Lagim mamvaddo mhonnon vhoreta sodam vochanaka, kanddi bonddi randun vaddlear ghora yeun sanganaka.

Choliek -

- Dogi tegi zazavo boson maream uvo, aichean zaleamv dhuvo ekye auyicheo.
- Vhoddilamni sanglam amkam, ami sangtamv tuka, nyai zhogddem naka amkam zazavank.
- roseanchye randnni kott'tteancho fog, visronaka mog tujye auyicho.
- Sokkodd kam' korn magir chikke bos, mam-i mamvakodde vicharn kullara yeun voch.
- Ayil'lea soireankodden borem korn uloi, utramni bhuloi vhoretachea kuttmak.
- Porum lailem zhadd amvdum urlem tadd, kaim chodd unnem zalear kullara sangon dhadd.
- Tolleantli maslli chillipilli uddtali, mitteo martali hokal kazarak.
- Tollttea maddachem moddol koitean benddinaka, vhoretachea kuttmak faleam kenddinaka.
- Valintlo bel koiten benddinaka, vingodd raveam mhonn vhoretak xikoinaka.
- Mamyk polleun bhie hokle mamvak polleun loje, xabhas mhonnon jie faleam koddeallant.

6.15 Somajik Porigot Kollomvcheo Vovio

Adlea kallar kuttmam krixi prodhan zal'leurvim, sagolle khatir ghora zovabdarechim monxeam asche khatir choleank sotra vorsam ani choliank chouda vorsanchea lan prayerch kazar kortale. Vidvink somajik vyousthent aukas natl'lo, sangatach zati vorg suchon korchem, doticho demvchar, cholo ani cholie modhem thor korchi poristhiti, somajent asl'lem chitronn hea sokoilea voviamni mellta.

- Amchea hitlant ambeachi sosi, futtounko na mixi vhokle vhoretak tujea.
- Masak marlo koito, usoll'llem hadd, puttonk na khadd amchea horetak.
- Ek xer vattun votlem ami tondra, vorsam zalim pondra amchea hoklek.

nagorikponn nhoim. Tori amchim malghoddim kaim dakxenn nastana zal'le nasomadhan, pottazall, vovio mhonntana xida sangon soddtalim. Dekun karye kaddteleamni kitench nasomadhan nastana karyem manddizai asl'lem. Asoleo vovio atam mhonnanant.

- Yejmani baye kiteakge vogi, apoile ghugi tujea daijeank.
- Yejmanichea ghora pakeak donxim tinxim burak, yejmaneak lagla surat ek ddram' soro dimvcheak.
- Amchea gadeant ghalea dudhinn, rag ailear vaginn amchi vhokalbai.
- Amchea gadeant ghalea dudinn, ghora asa vaginn hokle nonnond tuji.
- Amchea ghorak bitticho darvont, ghora asa korvont hokle nonnond tuji.
- Yejman amchi bai polleytanam bholli, tennem khelea gulli jirgi mirsangechi.
- Maga mohineant paus birbiro, dolle minnkiro amcho horet bab.
- Madda voili poi halon dholon poddi, doulot choddli horeta bhoinnink tujea.

6.12 Porgamvant Asl'leam Pasot Vovio

Kazar sobannank adlea kallar choddaut soirim poilench yetalim. Tori thoddepauttim porgamvak dispoddto gras zoddunk gel'lea kuttmachea sandeank kazarachea kareak yeunko zainatl'leavellar tosoleank ud'desun vovio asat.

- Mandri koullun mandrecho kelo koullo, manacho voullo maullo dubai urlo.
- Maddachi chuddeti kanachi koulli, manachi vhoulli bhoinn porgamvant urli.
- Ami boroilem kagad paulem bellgamvant, urlo porgamvant vhokle bhavo tuzo.

6.13 Sezaravixim Vovio

Monis samajik jivi. Sez-sambaracha porospor somporkant, sohovasant, somudayant jieta. Somudai va somaz soddun eksurem jieunko monxeak asadhy. Dekun somajent va somudayant jietana aplea dispoddtea jiunachea gorzank sezaryamlagim vochazaich poddta. Kuttmache sande konni lagim nant tor gorje akantavellar poilem mellcho adar sezaryancho. Kazari zoddeak sezaryamlagim mogan, borya sombondhant, ekvottan jieunko sondex hea voviamni asa.

- Ayil'lea soireank, bore mhonnon hogoll, xezari mogall, tujea gunnankhal.
- Gaga mhollear, sangxeat mhojem namv, bhorxeat sogllo gamv, gazoun kitem hamv.
- Narlacho ros dista aputt dhovo, kuttmasongim urom xaxvit ekvott tuzo.
- Muklea baglar mhaka pattlea baglar tuka, dokor kunkadd ailear zhogddem korinaka.
- Altoddichean mhaka poltoddichean tuka, oprup vatter mhell'llear ulounko ubganaka.

6.14 Kuttma Jiunak Nirdexon Dimvcheo Vovio

Adlea kallar kazari sombondh choddaut soirik sodun ghoddtale. Choddaut choliek poixilea gamvchea choleak kazar korn dimvchem asl'lem.

- Amchea hitlant ambeachi sosi, futtounko na mixi vhokle vhoretak tujea.
- Aiche ratir nid bori kadd, falea rati ankvarponna gutt sodd.
- Urva moidanar zomo pixeancho, kenchea mixeancho amcho vhoret bab.
- Kombien kaddlim pilam urlo ek komblo, bomboi bandla bonglo amcha vhoretan.
- Gõycho Gõykar, bhumycho bhumykar kuvoittcho saukar amcho vhoret bab.
- Put'turche penttent vikunk ghaleat chonne, tallver kes unne amcha vhoretak.
- Prayen lhan vhoret daddin vaddlo, duddvache axek bapain forin dhaddlo.
- Valichea kodela bittiche pam-i, kodelache rai hokle nonddave tuje.
- Monjexvorchea nhoint vorsak ek pauttim soxtt, arbeancho ixtt hokle vhoret tuzo.
- Doreantli maslli pitti pitti uddta, sunek polleun mam-i mittio marta.
- Ful bhangar mallun vhokal hangagi tinga, tea vhoreta mongak hanga yeunko sanga.
- Bhitorlea kuddant polleanchi kail, vokilachi bail hokle mam-i tuji.
- Yejman amchi bai polleytana bholli, tinnem khelea gulli jirgi-mirsangechi.

6.10 Borem Magcheo, Xubhaxoi Dimvcheo Vovio

Rosacho toxench kazaracho sombhrom' zaunko pauta kazar zamvchea hokle noureak tanchea muklea kazari jiunak ugtean borem magon xubhaxoi pattomvcheak ek ovkas. Adlea kallar, aichea kallar asl'leborim xubhaxoi pattounko madhyomam toxench vostu natl'leo. Bogar hea sokoilea vinchnnar utramni tankam borem magtale.

- Narlacho ros dista aputt dhovo, kuttmasongim urom xaxvit ekvott tuzo.
- Narlachem tel vhoreta ghottayek borem, muklem jinnem zamv tujem roglleamvinne.
- Bapleo ros laita, monant kitem chinta, boremponn magta, tujea kazarak.
- Dimbi ami ghaluyam, khursachi kuru kadduyam, kurpa ami maguyam, amcha jezulagim.
- Poili santakur, dusrem kelam tesamv, jezuchem besamv, amchye hoklek.
- Yejmanea raya kitem tujem chit, hacheaki vortem sant anton bap dit.
- Koses mai soiri, ruzar mai ghorchi, tinnem kurpa dimvchi amchye hoklek.
- Resper zaun pient ghalo hat, besamvam dige sat sontani pileadak.
- Sodd sodd vhokle ankvarponna nhesann, aichean zalem sasonn tuka silvagelem.
- Mamyk polleun bhie hokle mamvak polleun loje, xabhas mhonnon jie faleam koddeallant.
- Kazarachea ghora kuvallo xirestt, devo girest pidd'ddukek besamv dimv.
- Deva bapan keli soirik anz bhoddvo mhalo, povitr atmo ailo tumkam besamv diunko.
- Ankvari maye sorgar tuje hat, besamv di sat tichye sorpollek.
- Sonvaracho dis aitarak lagim, tumchi hokal az vhoretalagim.
- Aichean sodd hokle ankvarponnacho bhes, saddo nheson noureasongim sovear bos.
- Kazarachea ghora lokgi roit, koses mai soit jezun yetam mhollam.

6.11 Dukhomvcheo-Akman-Khoddi Kaddcheo Vovio

Amchim malghoddim utramni ani korneamni xida monxeam. Kosoleayi sondorbhamni va kareamni konnaiki utramni dukomvchem

- Amsann mirsang vattunk van, doddo di man vhoreta mivnneank tujea.
- Heavi mattvant baple tuje mhal, tujea bapaicha khal bapleo ros laita.
- Hea vi soirikek natl'lem amkam guman, maullo asa zoman hea soirikek.
- Sokallinchea jeunna aleachi kelea dos, nonddank gheun falea jeunnak bos.
- Champeachi paklli mallinaka meklli, ghora asa dhakli hokle nonnond tuji.
- Lobangelea maddar gunddu gunddu bonddo, gunddu gunddu dedde amchea horetak.
- Voulleanchea angar rong rong saddio, chond chond deddio amchea hoklek.

6.8 Dharmik Vyoktink Ud'desun Vovio

Lokachea khoinchyai dharmik toxench samajik karyokromamni dharmik vyoktinchem hazorponn bhovo gourovachem, manachem ani bhoktichem zaunko pauta. Rosachea disa firgoz vigar va dharmikam hazor ason magnnem kortat ani hokle noureak borem magtat. Toxench kazarachea disa yazokancho patr bhovo ovoxy. Kiteak resperachem dharmik karyem katolik bhavaddta pormannem yazoka hujir igorjint zaizai. Hea doni sombhroma vellar yazok, dharmik bhoinnim hazor aslear kareacho gourou choddta. Dekun tankam man korcheak heo vovio mhonntat.

- Santakruz koventant dha bara madri, teg zonn padri tujea resperak.
- Sokallim utton tondd dhu zhori, ruzaicho vigar tujem resper kori.
- Igorjechea voddtant ful'li ti damv, vigar vicharit namv tujem kitem mhonn.
- Pat ful'li patik ailim konnsam, vigar vicharit vorsam tuka kitlim mhonn.
- Resper zaun tivim dechlim marga, doskot poddli vorga padri vigarachea.
- Resporak veta vhoret tokli tachi tapli, sotri dhaddun dili korddelchea kajitoran.

6.9 Tomaxe Korcheak Vovio

Rosachea ani kazarachea kareak kuttmachim toxem mogachim, ixtt montram, sangata melltat. Hea vellar noureak va hoklek va tanchea vhoddilank lagxilean vollkonche vyokti tankam tuklaunko, pam-i voddunk, il'lem monoronzon diunko, tomaxe korunk heo vovio mhonntat.

- Bara pauttim uttlo yejman bara pauttim boslo, saddo molaitana munddu tacho suttlo.
- Bhangar tukun dilam yejmanin kempa vojrachim mudeam, kusl'lim dudeam heayi vozam voir.
- Bara mudde sasamv, tera mudde jirem, vhodd asa bhirem hokle vhoretachem.
- Bayek kazar mhonn pattli bhoinn hasta, duddvamni kusta vhokle mamv tuzo.
- Lobangelea maddar gunddu gunddu bonddo, gunddu gunddu dedde amchea horetak.
- Vatteuylo pimpoll panafoddicho, ghoddamoddincho hokle der tuzo.
- Ayil'le male, patt porton gele, pamyxi rupoi choddoun ajien apoyile.
- Avalleachea ruka mulla rompi kuvalleachi, derachea kazarak bhavoz duvalleanchi.

- Tapoyil'lye kailir korunk ghalea bhakri, mhatarya prayer mamychi kor chakri.
- Sokallim utton kellik ghal gobor, ghovageli khobor sangonaka auyger.
- Mamyk polleun bhie hokle mamvak polleun loje, xabhas mhonnon jie faleam koddeallant.
- Ek glas kafi don tin glasank ghalea, dogi tegi suno mellon mam-i-mamvachi chakri korya.

6.6 Devadhin Zal'leam Pasot Vovio

Konknni kristamv kazaram voviamni nhoim fokot jivont asl'leancho bogar devadhin zal'lea malghoddeancho, devadhin zal'lea bapoi, auy, azo, aji, bhavo bhoinnim ani mogacheancho uddas kaddn mhonncheo vovio axeo asat.

- Sorgar asl'lea bapoi kosli tuka tan, dhuven dilam dan tuka opis mis.
- Sorginchea bamyk bhangarachem dhampnnem, vegim ailem aponnem hokle bapaik tujea.
- Sorginchea bamyk add ghala ruk, ek golloi duk hokle auyk tujea.
- Mamychem yejmanponn sune odhin dilem, sorgaraz zoddlem vhoreta bapain tujea.
- Mez almar korn mezar dourla golas, sorgar zala ul'las tujye ajiek.
- Mez almar korn mezar dourlea ginddi, sorgar ghalea dimbi vhoreta bapain tujea.
- Heavi mattvant bara tera disam, poilim dhaddleant misam amcha yejmanean.
- Ghora ayil'lea soireank votun di vain, sorgar asa bhoinn horeta ugddas kadd.

6.7 Soiream Doireank, Daizank ani Kuttmachank Ud'desun Vovio

Odlea kallar kazaracho sombhrom' lagxilea ani poixilea kuttmachea sandeank, toxem vaddeagarank ani mogacheank sangata yeunko ek opurv sondorbh zatalo. Hea vella zom'l'lea kuttmachea sandeak mhonnje bhavo bhoinnim, maulle, baple, mauxeo, mivnne, dedde, maldedde, deddio, lagxilea soireank, daijeank, vaddea gurkarak, ani vaddeagarank ud'desun, tancha borya mhonak dhonyovad pattounko, tanka gourou pattounko ek aukas zaunasl'lo. Hea khatir heo sokoileo vovio mhonntat.

- Panpodd dhimtti suno asa tattant, daiji sorv zomleat yejmanea mattvant.
- Yejmanichea hatant bhangaracho chuddo, sogllo bhorla vaddo vhoretachea mattvant.
- Rosachea mattvant xirotigi pan, poilo diat man vaddeachea gurkarak.
- Bapleo ros laita, monant kitem chinta, boremponn magta, tujea kazarak.
- Bhatachea raxir, boson asa kaullo, munddasgar maullo atam ros laita.
- Mandri koullun mandrecho kelo koullo, manacho voullo maullo dubai urlo.
- Maddachi chuddeti kanachi koulli, manachi vhoulli bhoinn porgamvant urli.
- Yejmanichea humbrar vhodd asa pagor, bhovo asa adhar vhoreta mivnneancho.
- Ayil'le male, patt porton gele, pamyxi rupoi choddoun ajien apoyile.
- Ambeache fantte koiten sovorle, bore vavurle hokle bhavo tuje.
- Avalleachea ruka mulla rompi kuvalleachi, derachea kazarak bhavoz duvalleanchi.

- Vhoklege baye golleant tujea bentinn, auy bhorlea khontin dhuvek kazar mhonn.
- Rosacha mattvant soirim dharall, mon movall hokle bapayichem.
- Heavi kazarak kitem zala noxtt, bhovo zale koxtt hokle bapaik tujea.
- Kitem uloileari monant tinnem soslam, putabori poslam, hokle auyn tujea.
- Dhamvchea ghoddeak bhandila palla, bhienaka balla mhonnta auy tuji.
- Bapoi ros laita, monant kitem chinta, boremponn magta, tujea kazarak.

6.5 Budball Sangun Vovio

Aichea kallar kazar zatalea cholea choliek zaiti zannvai, somzonni asta. Ani kodd'ddayechi kazari xikounn kuttma jinnie kendra thaun, firgoz yazok, dharmik ani layik mukeleam thaun labhta. Kazari jinnievixim zaiti mahet torneam zoddeank tanchea xikxonna thaun, madhyomam ani ontorzalla mukantr poilich labhon asta.

Punn adlea kallar atanchea bori xikxonn ani torbeti dimvchim madhyoma ani vidhanam lokak natl'lim. Igorzo lagsar natl'leo. Iskolam polleunko oprup asl'lim. Hea poristhitent vividh prodexamni ximpoddlolo kristamv lok tanchem atmik kaide pallcheakhatir ani dharmik xikounn zoddcheakhatir moilangottlean cholon igorjik vetalo. Iskol xikchem bhag bhovo thoddeank matr favo zatalem.

He porigotint kazar zamvchea hokle noureak rosacho ani kazaracho dis zaunko pautalo tanchea logna jinniek budball sangonk, hondvon jieunko, gourou diunko, kuttma jinni samballunk, malghoddeank man diunko, bhurgeaballank dekin posunk, kullaracho gourou dourunk, auy bapoicho uddas dourunk, bhavaddtachim sotam xikomvchea khatir. Hem xikxonn sokoilea voviam mukantr labhtalem.

- Bokreachea masak rosache polle, bapain kel'lo upkar sodam chintun polle.
- Sokallim utt'tana hokle kullarachim chintnam, auy bapaicho mog urom kallzant sodam.
- Disak poddlem vot ratik poddlo dovo, polli korn di movo hokle mamvak tujea.
- Pan podd khaun uddoilem pik, nennam asl'le kam' mam-ikodden xik.
- Milavachea koitulak chinchechem thorum, mam-i jiun tarum vhokle samballn vhor.
- Voddtantlem zhodd koiten benddinaka, utramni vhokle mamyk khenddinaka.
- Yejmanichea hitlant valichim taddam, mamychim don haddam vhokle zoton kor.
- Abolem ful'lam bam-ilagim, borya gunnamni chol vhokle mam-ilagim.
- Ayil'lea soireank udok mandri dixi, mhal sun zaxi faleam sozanger.
- Ayil'lea soireank patti korinaka, jevann dilea xivai tanka dhaddinaka.
- Amvdum layil'li val mukhari zalem tadd, ulo korn vadd vhokle mamvak tujea.
- Amchea ghora pattlean bandhun galea gai, mamyk aila vai vhokle tel lai.
- Amchea ghora mukhar asa paz, panpalle bhaz vhokle mamvak tujea.

- Adall'llelem bott usall'lleli kat, benzarachi vat amchi hokal bai.
- Bokddi amchi dhovi, gai amchi kobli, saddear atam sobhli amchi vhokal bai.
- Vhoretare baba, bolsant tujea badam', saddear dista modam' amchi vhokal bai.
- Gõyam vechye vatte konnerichem pik, mudie voilem thik amchi hokal bai.
- Dova vorni dhovi, chondra vorni tambddi, eka neketra sangddi, amchi hokal bai.
- Dhovea kapddak rosmachi barik deg, rupan mannik amchi vhokalbai.
- Haddank marunk koito, masak ghalunk sirko, xegunnamni vorti amchi hokal bai.

6.3 Horetak Ud'desun Vovio

Sobar vovio horetache gunn, xegunn, kuddichi kalet, sobhai, budvontkai ani arthik sthiti vornnon korn ghoddl'leo amkam polleunko melltat. Hea voviam mukantr kollon yetaki dhonatmok ani sokaratmok protsahaurvim kazar zamvchea horetak aplea bhesachi ani zovabdarechi porichoi zata ani tanchem jiun koxtta akantavella, somosye addkollevella, dhonatmok thoran songti svikar korunk sohokar zata. Dekik, thoddeo vovio hanga sokoil asat.

- Gõycho Gõykar, bhumycho bhumykar kuvoittcho saukar amcho vhoret bab.
- Xezara ixttak azch zala cherko, angan bollvont sarko amcho vhoret bab.
- Valiche tudyer ful'lem vovall, utran movall amcho vhoret bab.
- Mug foddn mugachi keli dall, kuttmak mogall amcho vhoret bab.
- Vaddeantle manest aileat hanga somest, polleunko dista rupest amcho vhoret bab.
- Voddtantlea zhaddatallver ful'la bongo, opurbayecho gonddo amcho vhoretbab.
- Aprosache vattlek bhangaracho bhomvor, talentacho kumvor amcho vhoretbab..
- Anjelbaye hitlant choron asa gai, anjelorcho rai amcho horet bab.
- Amgelea maddar asa ek khubo, ghott mutt ubo amcho vhoret bab.
- Urva moidanar zomo pixeancho, kenchea mixeancho amcho vhoret bab.
- Kombien kaddlim pilam urlo ek komblo, bomboi bandla bonglo amcha vhoretan.
- Tenne konn yeta tambddea kobayecho, bhurgea sobayecho amcho vhoret bab.
- Dhovo ghoddo banddilo sumrgi, rupan fimrgi amcho vhoret bab.

6.4 Vhoddilank Ud'desun Vovio

Voviamni kazar zamvcha hokle noureachea auy bapoik unchlem sthan man ani gourou dil'lo dison yeta. Hea vorgachea voviamni vhoddilanchi zovabdari, tamnni kaddl'li minot, tanchi khont bezarai, gunn xegunn vornnon keleat. Dakleak,

- bapain vagoilem tuka kaningi kesim, auyn vagoilem tuka unddiam ghasim.
- Bharik remv kagdar voroili, vatt zhoroili vhokle bapain tujea.
- Pauschch yevun udak zalem vhalla, koxttant poddlo balla bapoi tuzo.
- Bhitor ghal'li mandri bhair voddinaka, kazar zalai dekun vhoddilank kenddinaka.
- Maddacho khubo narlamni sobhta, mogachi auy hoklek ros laita.

6.1 bhavaddtak lagu zal'leo vovio

Hea voviamni bhavaddtak logti zal'leo songti attapun asat. Hea sokoilea voviamni devo, jezu, povitr atmo, trindad, morimai, povitr sobha, sakrament ani sant bhoktancho ul'lek asl'lo pollouyet. Dekik, thoddeo vovio hanga sokoil asat.

- Pett korchea yejmani kadd santakhursachi khuru, somest porjek pavon petti adhik ur.
- Rozari maye pamyank tujea pamyzonnam, satt tinxim aidanam heayi pettilagim.
- Haddea nisonn, kaddeam'mi mudde, sam. Zuje bap yeta fuddem pettik besamv diunko.
- Deva bapa, deva putra, deva spirit santa, kurpechea disa yejman adan dourta.
- Kani ghalem tel kopolim kaddlo khuris voikunttincho Jezu Krist vhoretak besamv dit.
- Telacho khuris hokle kopolar sobhta, kullaracho uddas kedinch visronaka.
- Bara pursam bamyk tera pursam razu, khursa soit jezu, rosak besamv dit.
- Besamv magon, hokal boslea banka, dixtt laun sorga jezu moriecher.
- Bhangarachi mudi sonaran varoili, soirik boroili sorginchea devabapan.
- Bhazl'li maslli ximtten korpali, khuris sorpolli vhokle tujem ayaponn.
- Resperacho bhes bandla ekye dorie, besamv dige maye sorginche virza morye.
- Jezu-mai yeta samkea darvattean, saddoch haddla konnak sangon, roza magon amcha jezulagim.
- Saddo haddun dourila boxie, jezuche khuxie yejman saddo bhorta.
- Saddo haddun dourila hea bankar, besamv di taka sorginchea deva.
- Dimbi ami ghaluyam, khursachi kuru kadduyam, kurpa ami maguyam, amcha jezulagim.
- Yejman pidd'dduk bandta deva bapak somorpun, tachenavim ghege hokle ayaponn.
- Rosall narl kant'tana karvo, spirit sant parvo tujye sorpoller.
- Yejmanea raya kitem tujem chit, hacheaki vortem sant anton bap dit.

6.2 Hoklek Ud'desun Vovio

Choddit vovio hokleche gunn, xegunn, sobhai, budvontkai, churukai, vostur, bhangar ani Xringar vornnon korn ghoddl'leo amkam polleunko melltat. Hea voviam mukantr kollon yetaki dhonatmok ani sokaratmok protsahaurvim kazar zamvchea hoklek aplea bhesachi ani zovabdarechi porichoi zata ani tanchem jiun koxtta akantavella, somosye addkollevella, dhonatmok thoran songti svikar korunk sohokar zata. Dekik, thoddeo vovio hanga sokoil asat.

- Amcha vallnnek kaddlea koloi, chondremachi sobai, amchi vhokal bai.
- Amcha voddtant fulam pormolltit, vojram tholltalltit tujea mininar.
- Amchea ghora mukar rosballea kelleanchem bondd, roxim' tondd amchye hoklechem.
- Amchea ghora mukhar kemllbean ghalam bondd, udkaurni thondd amchyi vhokalbai.
- Akaxim tallvem ful'lem popall, mon movall amchea vhoklechem.
- Adall'llelem bott lagl'lem pallak, koddiallchem sallok amchi hokal bai.

Odhyai 6. Vixoyavar Vapar Zamvcheo Vovio

Voviam vixeant vixlexonn kelem tor amkam tantum amchea malghoddeanchea zannvayechi ani onbogachi vollok mellta. Amchekodde ascheo vovioch haka saks. Horyeka kareak, sombhromak, kamak sombondhit vovio amkam aikonk melltat. Adim amchea malghoddeank monoronzonak dusreo vatto natl'leo. Dekun gain tanchea jivitant rong bhortalem.

Vovianche vixlexonn kortastana, sondorbhak anusar matr nhoim, vividh vixoyancher vovio rochl'leo amkam polleunko melltat. Kazarachea horyeka kareak sombondhit vovio vixoyauyr hondvon hea pori vanttun ghalyet ani tantu attaplelea vixoyanchem vixlexonn koryet.

1) bhavaddtak lagu zal'leo vovio,
2) hoklek ud'desun vovio,
3) horetak ud'desun vovio,
4) vhoddilank ud'desun vovio,
5) budball sangun vovio,
6) devadhin zal'leam pasot vovio,
7) soiream doireank, Daizank ani kuttmachank ud'desun vovio,
8) dharmik vyoktink ud'desun vovio,
9) tomaxe korcheak vovio,
10) borem magcheo, xubhaxoi dimvcheo vovio,
11) dukhomvcheo - akman- khoddi kaddcheo vovio,
12) porgamvant asl'leampasot vovio,
13) sezaravixim vovio
14) kuttma jiunak vovio,
15) gayil'leavoviek zovab zaun vovi (vovi pontatt),
16) samajik porigot kollomvcheo vovio,
17) itihasantlea ghodditam vixeantleo vovio,
18) her bhaxenche sobd vaparl'leo vovio,
19) vikar vovio ani arth natl'leo vovio.
20) voviamni pojddeponn
21) vovianchea sobd, rup ani arthant bodlaunn
22) voviamni soro
23) Voviamni sombondh rupit sobdhaull

739) bara bhangaracheo simpolin bara rupiancheo, axem chovis mudio simpolin vhoreta mamvaddeacho.
740) bapaichi bhoinn simpolin mhaka lekta akoi, mamvaddeacho mudio vhoreta amkam sokddank dakoi.
741) lognam porbam vellar vhoreta mudio bottank nettoi, ayer kelelea sorvoi soireancho upkar motint attoi.
742) koito marlo masa usall'llelem hadd, mamv ayer korta horeta chepem kadd.
743) randnnint uzo korunk vhollu agttem lagoi, mam-i ayer korta horeta tokle bhagoi.
744) sant bhokt amkam patron saver, auycho ayer hokle sodam ugddas dour.
745) somar somarak aitar aitarak, mamyn haddlam puddvem horetak ayerak.
746) dakttea muddea vorni vhoddlea muddeak zoddai, mamvan haddla ghoddat horetak ayerak.
747) xirandharincho paus votlo gamvar, manacho ayer hokle mamvan kelo.
748) bhatachea raxir, boson asa kaullo, munddasgar maullo atam ayer korta.
749) amchea hitlant vaddla karanno, atam ayer korta manacho mivnno.
750) sokallim fuddem dhornnir poddlo dovo, atam ayer korta mogacho bhavo.
751) ek toddvem tandull, baye vasuddn kaddgo kunddo, tujea noureachea kustar, baye lonnient kago unddo.

717) kamara saulle disak dive pettoi, sodam ghaln nettoi tujem ayaponn.
718) eka kanak alki eka kanak kap, mamyn kaddlea vop hokle bhangarachi.
719) kemllboch katorn kemllbeacho kaddlo dor, mamyn koroila fugador gollobhor.
720) kazarachea ghora kuvallo xirestt, devo girest pidd'ddukek besamv dimv.
721) kemllboch katorn uddoyilo dor, gollo bhor sor tuka noureager.
722) Kinnigolichye penttent vikunk ghaleant boddkam, saddear haddleant kuddkam tujea vhoretan.

5.18 Sovear Bostana Vovio

Hoklek saddean, fula-bhangaran nettoun zalea uprant voviam mukantr striyo hokal toyar zalea mhonn horetak kolloitalim ani yeun hat dhorn apoun vhorunk sangtalim. Hokal ani horet dogam-i sovear bosonk vetana mhonncheo vovio heo.

723) vhoulleam modhem hokal zalea aiti, dhorn ujvea hati vhoreta apoun vhor.
724) aichean sodd hokle ankvarponnacho bhes, saddo nheson noureasongim sovear bos.
725) vhoret amcho bab pattim pattim sorta, kirongolli dhorn hoklek soveak vhorta.
726) sonvaracho dis aitarak lagim, tumchi hokal az vhoretalagim.
727) saullea angak pitambor hit, puneancho mamv tuka anond dit.
728) ful ful'lem ruka, pormoll ailo naka, kitem polleytai vhoreta hokal aichean tuka.
729) vhoret poullem hokal abolem, konne mhaleamni tanchem zoddem kelem.
730) sokallim utton kellik ghal gobor, ghovageli khobor sangonaka auyger
731) addap khoddap bandun, khoddpi ponda bandlem ghor, vhoullea modhlye hoklek vhoreta sodhun vhor.
732) ixedd'ddacho ambo hatant dhortam movo, sovear vhorat lovo amchea vhoklek.
733) kazarachea mattvak xirotigi pan, poilo dia man vaddeachea gurkarak.
734) kazarachea ghora lokgi roit, koses mai soit jezun yetam mhollam.
735) kazarachea ghora zonelam soddlim varya, xintid na tharya, amcha yejmaneachem.
736) kazar zaloi mhonn vhodd zainaka, auy bapaik vhoreta sanddun ghalinaka.
737) kazar kazaryank mudi ankvaryank, asi arth asli amkam xezareank.
738) devabapan keli soirik anz bhoddvo malo, povitr atmo ailo tumkam besamv diunko.

5.19 Ayer Kortana Vovio

Adlea kallar novean kazar zal'lea zoddeak tanchea muklea kuttma jiunak adhar zaun kazarachea disa kuttmachim, daiji ani voullim hokle noureak poixeamrupim va vosturupim kanniko va ayer ditalim. Hea vellar ayer ditoleanchim namvam, konnem kitem dilam mhonn vaddeacho gurkar vhoddlean ulo korn sangtalo. Punn azkal sudral'lea arthik sthitenimtim ayer dimvcho va ghemvcho somprodai nanch zala. Ayer ditana gamvcheo vovio axeo asl'leo.

5.17 Bhangar Ghaltana Vovio

Fulam malln zalea uprant hoklek bhangaran nettomvchem asl'lem. Adlea kallar horetan koriyomonni bandchi rivaz natl'li. Bhangarachi sorpolli ayaponnachem sonket zaun hoklechea golleant sobhtali. Hi sorpolli va pidd'dduk hoklechea gollea bhomvarim ghaln hoklek apli sun mhonn sasumam-i svikar kortali. Sorpolli bandhun zalea uprant golleant her nogamni hoklek sumrgaraitali. Aichea kallar horetch hoklek koriyomonni bandta. Hoklek bhangaran nhettoitana mhonncheo vovio axeo asat.

691) aitara disa geleamv ami misak, bhair kadd yejmani pidd'dduk kurpechea disa.
692) devabapa, devaputra devaspirit santa, kurpechea disa yejman pidd'dduk bandta.
693) yejman pidd'dduk bandta deva bapak somorpun, tachenavim ghege hokle ayaponn.
694) meymoche ghaln vhoret raula vankddo, dambun ghalea ankddo hye pidd'ddukecho.
695) motiancho sor hokle tuka toyar kela, golleak tuza sobhounko vhoret aito raula.
696) aitara disa amim gel'leamv misa, band yejmani nekles kurpechea disa.
697) bhailean ailem tarum tarvar ailim bulam, sokkodd bhangar kelam vhoretan chinchi fulam.
698) bhangarachi mudi botta sorasori, zavam borabori amchi hokal bai.
699) bhazl'li maslli ximtten korpali, khuris sorpolli vhokle tujem ayaponn.
700) sonarachea hata bhangarachi pett, hench bhangar ghaln hokle sodanch nett.
701) sonarache salle disak dive zolle, chondr sureo khelle tujea pidd'dduker.
702) narl bhetun narlachem keleant vollim, mamyn dhaddleant bollim hokle bhangarachim.
703) vhoklege baye golleant tujea sori, aplem dhuve bori mam-i tuzo mog kori.
704) vhoklege baye golleant tujea sori, tuje kaide kelear mam-i tuje bori.
705) ankvari maye sorgar tuje hat, besamv di sat tichye sorpollek.
706) hamv pidd'dduk bandhtam, konn mhonn chintsi, falea vollkosi mam-i mhonn tuji.
707) kes ugoun kesank ghali panti, url'lea kesank vhoret laita motim.
708) Kinnigolichea penttent vikunk ghaleant boddkam, saddear haddleant kuddkam tujea vhoretan.
709) kirongolli mudi usoll'lli ti bidi, kullieunt sodi amcho yejmani.
710) gamvcho sonar vhoretacho ixtt, novi kelea xist hea neklesak.
711) Gõycho sonar gamvchea sonarak lekhta, nekles boro sobhta amchea vhoklek.
712) doreantlo xeutto zallan mogor pagta, boremponn magtam tujye pidd'ddukek.
713) kirikiri val muskar choddoili, neklesachea poddan tika ubi keli.
714) kalli pidd'dduk annosichea suta, sobagechea putak hokle auk mag.
715) kalli pidd'dduk haddlea poixeachi, dhaddlea sasnnachi hokle mamyn tujea.
716) kalli pidd'dduk kasachigi sasachi, kosesamv mayechea besamvachi adro voir.

659) konnericho kantto konnerir moddea, bhang soma kaddea nentte nenericho.
660) paus yeun udak demvlem vollie, mogrem ful'lem tallve amchye hoklek.
661) ami haddleat fulam kosoleo teo pori, pati komrballo mallea tichea kesam sori.
662) paus yeun tolleant zalo vhallo, patt bhor jhelo hokle mamvagelo.
663) fulank gel'lo korolo tanelogi bhikelo, moti moholant jeunnak boslo.
664) ful bhangar mallun matem zalem baya, heach fulamni vhoklek noureager payat.
665) ful bhangar malln matem zalem vojem, khoinchea gamvak dilem-i yejmanea bhurgem tujem.
666) ful bhangar malln hokal soboli, tallver abolim fulam bhangarachi.
667) bhitorlea kuddant chiron aileo muyo, ami haddleant fulam tuka zayo zuyo.
668) bhitor ghoddla sovo, bhair ghoddla moso, mogri molaunko gelo hokle nonddavo tuzo.
669) muddoch foddun fapuddlem kolem, kalcha fulamni hoklek aitem kelem.
670) varem paus yeun angnni manddlo xello, donnir ailo kollo hokle mamvangelo.
671) mamvan haddleant fulam hokle zayam zuyanchem vojem, mam-i fulam mallta hokle bhag tujem.
672) mattou ximvla ximvtea mogreamni, mam-i fulam mallta hokle divuteamni.
673) pattir soddle kes, kesank mall'llim fulam, yejmanin utor dilam gom'mot kortam mhollam.
674) pattir soddle kes, kesank mall'llim fulam, viski ditam mhonnon yejmanean utor dilam.
675) maga mohineant ximvtea bhovo pan, fulam mallteamv hokle tujem matem san.
676) yejmanichea humbrar kasollecho kholo, lamb soddoya jhelo teavi kosturecho.
677) abolem ful'lam aboleachea ruka, mam-i fulam mallta vhokle kesan kes.
678) abolem ful'lam aboleachea ruka, zavo dhamvon aileat vhokle polleunko tuka.
679) amchea ghora mukar rosballea kelleachi saulli, hadd korolye vaulli hoklechim fulam bandhunk.
680) aitarachea disa lokachi khett, nettoun dhaddlea pett fula bhangaran.
681) zaichea kolleak kostur ghalea meklli, atam soddoya xinklli tye kosturechi.
682) itlim fulam ekttam-i korunk mamyk laglim dimrgam, saddear haddleant sumrgam fula bhangarachim.
683) rupiache boxyent saddo soboyila, aboleancha jheleamni taka sumrgar kela.
684) resper zavun vigar choddlo mallie, mogre fulam tallve amchea hoklechea.
685) udok kaddunk kollmem, udok ximpunk korlem, eka chendda fulamni hoklechem matem bhorlem.
686) kes ugoun kesank ghali xenddi, dambun malleam penddi pati komrballeachi.
687) kes ugoun kesank ghali panti, url'lea kesank vhoret moteam gunti.
688) tenne konn veta mogasangddi vhoulli, tallver chikolli fulam bhangarachi.
689) vhoklege baye kaim bore tuje dolle, tujea nonddani tuka fulayil'le kolle.
690) ful bhangar mallun vhokal hangagi tinga, tea vhoreta mongak hanga yeunko sanga.

632) dhornnir marli mutt ani vonntik aili futt. zazavancho ghutt faleam samballn vhor.
633) amchea gotteant gab asa gai, char-panch bhurgim ghorant asonk zai.
634) hokleche kes motianche ghos, disak don ghoddio punni horeta sovem bos.
635) dekhivont kuttam' horeta faleam ubem kor, ghordarachea vaurant hoklek kumok kor.
636) voilea ghora tuka sokoilea ghora mhaka, eka bamychea udkak faleam zhogddanaka.
637) nenntulea porank utrant dukoinaka, mamychea utrank rag dakoinaka.
638) bhurgeank nidaunko aji sangta kanni, gunnamni ranni omchi hokal bai.
639) mez olmar manddun mezar dourli alki, sorvoi angan sarki amchi hokal bai.
640) ghora mukar mattvar demvleant touxim, vora dileant nousim hea saddeak.
641) ghora mukle gade tin bellim vosoi, monnim bosoi hokle mamyk tujea.
642) champeachi paklli mallinaka meklli, ghora asa dhakli hokle nonnond tuji.
643) doreantli maslli pitti pitti uddta, sunek polleun mam-i mittio marta.
644) dukracho pilo masacho gullo, hye soirikek bhul'lo hokle mamv tuzo.
645) don xer ghalchye thoim tin xer ghal, potik punzaun nonddank apounko dhadd.
646) denknnoch ghalo mhonn dhorinaka monant, ghalinaka kanant tujea vhoretachea.
647) dogi tegi zazavo ami eka ghorincheo, mamyn kaddleat saddio jinsaborincheo.
648) denknno ghalo zalear tonddak polleun has, mogachi ras hokle mamv tuzo.
649) yejmanichea humbrar uddon gelem chitall, randop zai nitoll hokle mamvak tujea.
650) ikkerichi ranni chen'nom'mo zhozant ghott, mamva mukar hokle chukoni marinaka fott.
651) dege palvan borem kapadd angan chike vaitt, dubllye jinnyek zait amchye hoklek.
652) bentinnichi dori kalligi gori, dot thoddi zaleari hokal mell'lli bori.
653) bhair bhitor vetana pamyank yetit voddi, randpak kaddit khoddi hokle mam-i tuji.
654) yejmanichea ghora voir demvta choddta pal, manan chol vhokle tujea mamyilagim.
655) sambara bhitor sambar piavachem sorl, sontoun ghala vorl voklek saddeachem.
656) alo ani palo salant ek kelo, amche vhoklecho saddo nesoun zalo.

5.16 Pulam Mhalltana Vovio

Hoklek saddo nhesoilea uprant fulam mallchem karyem horetachea paddticheo striyo choloun vhortat. Mogrea kolleanche jhele demvoun tea uprant tallver kopalachea bhomvtonni aboleanchea fulancho olonkar kortat. Adim thaun obolim kazari striyamni matr mallcho somprodai asl'lo. Hea vellar mhonncheo vovio axeo asat.

657) yejmanichea ghora mukhar udkan bhorla todd, mam-i fulam mallta vhokle hat zodd.
658) bharik xelo udkar paxar zalo, atam malleam jhelo tika aboleancho.

601) resperak vetana mukar mell'llo parvo, vel boro mell'llo tumkam resperak.
602) resper zaunko salantlean gelo, hatak hat diun vhoret resper zalo.
603) resper zaun hat dhula udkan, tanchem resper zalam bhovo turtan.
604) resper zaun tivim dechlim marga, doskot poddli vorga padri vigarachea.
605) remvall gadea konngechye vali, Milargarn zali amchi hokal bai.
606) rosall ponnsantlo kaddlo ek goro, monant bhovo boro hokle mamv tuzo.
607) uddupint poddl'lem moddol koddeallak vhelem voddit, thoim asl'lem ghoddit amchye hoklek.
608) eka popllacheo bot'tis keleo foddi, randl'lea randpak vhoret kaddit khoddi.
609) ek pauttim dhul'lem aidan dusre pauttim dhuije, ghor nitoll zaije hokle mamyk tujea.
610) ek glas kafi don tin glasank ghalea, dogi tegi suno mellon mam-i-mamvachi chakri korea.
611) hun hun kafi kuleran nivoi, sokallim jemvchi souy hokle bhaveak tujea.
612) heavi ayaponn kosem samballsi, aicha sakramentak faleam pallo dixi.
613) heavi mattvant dogi tegi benddkar, dis zalo donpar yejmani turt kor.
614) hadd bhava chavi ugodd tuji pett, dakoi mott koroleanchea saddiancho.
615) hoklege baye vhoretager bhag, xembhor vorsam mag tujem ayaponn.
616) kazarachea ghora pottli sambarachi, mam-i bhangarachi hokle mog kor.
617) katthavi molailo xilari kaddlo, gulobi haddlo hokle bhavean tujea.
618) konknneanchi choli mattvantlean paxar zali, thoddeo vovio mhonnonk yejmanin roza dili.
619) koddeallcha gamvant vikunk ghala sambar, tumkam nangi khobor valensia dilem mhonn.
620) koddeallchem penttent vikunk ghala vimtto, saddo boro mhonnon nondden kaddlo chimtto.
621) koddeall poddlem moddol yedengi tedem, lorett'ttok yemvchem hoklechem kalliz kedem.
622) koddeall vetana mukar mell'llem sttexon, novem kelam fexon amcha vhoretan.
623) kholea bhitor kholo kasollecho, sokddam pras bhollo hokle mamv tuzo.
624) tokli ghumvli mhonnon yejman bosl'li, saddo polleunko uttl'li yejmanichi munz tuttli.
625) tin pauttim uttli yejman tin pauttim bosli, saddo molaitana tichi tokli ghumvli.
626) poltoddi doreo altoddi nom-i, sokkodd mamyank ghumvl'lea bori tikai ghumvli khoim.
627) telant soddl'li polli bhair bhitor bhajta, hun khelear lasta hokle mamvak tujea.
628) teuxim yeuxim doreo modhem futtlem lhar, dixtti poddlem xohor vhoretak mamvaddeachem.
629) tersa vellar ters, versa vellar vers, kuttmacho ters hokle chukoinaka.
630) giri giri val muskar choddoili, pidd'ddukechea poddan tika aiti keli.
631) girigiri dantea tujea dave, nimannea zave ami apounko aileamv.

571) mamyk polleun bhie hokle mamvak polleun loje, xabhas mhonnon jie faleam koddeallant.
572) madda voilo narl khubear uron suklo, sangat amcho chuklo nondde bhaujecho.
573) vhoretare baba, bolsant tujea badam', saddear dista modam' amchi vhokal bai.
574) vhoretachem ghor maddamaddyent, vhoretan zoddl'lo duddu koroleam saddienk.
575) vhoddilamni sanglam amkam, ami sangtamv tuka, nyai zhogddem naka amkam zazavank.
576) yejmaneachea gotteant ghattachem zot, sangl'lem sot hokle mamvak tujea.
577) yejmaneachea ghora voilean choddta demvta pal, manan chol tujye mamychyekhal.
578) yejmani maye palomv vodd sarko, zamvoi mell'lla tujye bhage sarko.
579) aboleachem ful tambddem tambddem dista, hoklek polleun hasta amcho vhoret bab.
580) altoddichean mhaka, poltoddichean tuka, oprup vatten mell'llear ulounko ubganaka.
581) ayil'lea soireank bosonk mandri ghalchi, tisri sun zamvchi amchi hokal bai.
582) amchea hitlant pat puloli, sunek polleun yejman khuxen bhuloli.
583) amchea hitlant gulob fulolo, vhoret bhulolo hoklechea gunnank.
584) amchea gamvant natl'lo vag, ghalunk na mag koroleanchea saddiank.
585) amchea ghora mukar kemllbean ghala ghoddai, soirik kel'lea mhalea uloinaka boddai.
586) anjeani haddlo saddo, bhoddveamni keli goddi, tea saddeachea goddie yejman pidd'dduk douri.
587) aixanchem soddlem nouxanche nhesli, silvangeli disli amchi vhokal bai.
588) ailo undir uddlo tallear, mott ghaleat mallear koroleanchea saddianche.
589) attam disanchye hoklek pondra disancho vaido, tel puscho kaido amchye hoklecho.
590) ardhye botlintlem sogllye botlik korea, dogi suno mellon mamyk bhair korea.
591) ixedd'ddacho ambo dhaddaun pikoinaka, veglle ravea mhonn vhoretak xikoinaka.
592) dukrachea masak marlo ek koito, vegllo ramvcho kaido amchye hoklecho.
593) zalak kaddlem xenn mhonnon ghorak kaddli kavo, aichean zali zavo mhaka sangatak.
594) zai ful'li zhadda, kostur ohul'li vali, valensiagarn zali amchi hokal bai.
595) zatam zatam mhonntali hokal silvangeli sun, namvaddleat gunn hokal bori mhonn.
596) rosmacho saddo zhorichea fulamni vinnla, heach saddean hoklek az sombhounko chintlam.
597) ranant araun dourlea kholi, sadi ani bholli hokle mam-i tuji.
598) ruka voilo pimpoll panamni patoll, utram nitoll hokle vhoretachim.
599) rukar pikl'lea ponnsa mullant bhomvta chani, bhavan haddlea ranni mhaka lekhta voni.
600) zhoddambhitor zhodd tambddea gulobachem, noureababan vinchlam mannik sobhagechem.

538) lamb nesonn mett dhampat, man rakat faleam lobanger.
539) lagxili nonnond yet zalear mittamirsangen vadd, poixilea nonddek xeutte randun vadd, tevi pavanatlear vhoretak pagunk dhadd.
540) satt tinxim nonddo mhonnun korinaka xinn, kaxa nonddo aschim tuka chougi zonni.
541) sokallim utton saronn ghalea humbrim, dixtt ghal dongrim tujea kullarink.
542) sokallim utton kellik ghal gobor, ghovageli khobor sangonaka auyger.
543) sokallim kel'li polli sanjer zali xelli, zonelantlean tilli hokle auy tuji.
544) sokallim ghal'lea lonncheak sanjer poddli kus, panpolleanchi ruch hokle mamyk tujea.
545) sokallinchea vella yejman korta kafi, koslo guneamv kelear mam-i korit mafi.
546) sokallinchea jeunna aleachi kelea dos, nonddank gheun falea jeunnak bos.
547) sokallinchea jeunnak kullttacho katt, mamyk poddlem hott tukach haddizai mhonn.
548) saddoch haddla tolleachea bandhan, korolechea khandan saddo mattvim paila.
549) sat sotreo gheun horet veta bhomvot't, mannik mell'llam khellonk amchea horetak.
550) sonara sale kursat koddoila, minin ghoddoila hokle mamvan tujea.
551) sopacho ghalim panam hatant dhorlim yennam, dusri saddi diunko zanna hokle mam-i tuji.
552) disak polleun hasli, ratik opvali, atam polleun xermeli hokle mam-i tuji.
553) dogi tegi zazavo boson maream uvo, aichean zaleamv dhuvo ekye auyicheo.
554) nonddo ailear hason uloun ravo, nonddave ailear kodel mukhar vodd.
555) pornea kanttik novem bandlam pond, sompan vaddlem dond hokle mavank tujea.
556) panpodd khaun uddoyilem pik, kollit natl'lem kam' mam-ilagim xik.
557) panpodd khaun uddoilem zamball, pamyxim rupoi samball hokle vhoretak.
558) pamyank lailim chinelam, vonnttik marlim painelam, dot bhair vochonk soddlinam hokle auyn tujea.
559) prayen lhan vhoret daddin vaddlo, duddvache axek bapain forin dhaddlo.
560) ponnos katorn hatak laglem menn, ghora na zonn hokle mamyk tujea.
561) fuddem nam bhavo hokle pattim nam der, deva khatir tacho mog kor.
562) hi saddi nheson kodelar bos, dusri saddi dili zalear panam khunttunk voch.
563) Bajalchea gamvant soglle pottel, ordo vokil hokle mamv tuzo.
564) bhitorlea kuddant lampeamv konnacho, borya monacho hokle mamv tuzo.
565) bhitorlea kuddant polleanchi kail, vokilachi bail hokle mam-i tuji.
566) valichea kodela bittiche pam-i, kodelache rai hokle nonddave tuje.
567) monjexvorchea nhoint vorsak ek pauttim soxtt, arbeancho ixtt hokle vhoret tuzo.
568) mukhar yeta bonnko pattlean yeta konknno, utra fuddem denknno hokle mamvak tujea.
569) mamv soddina zalear hokle mam-i soddit tuka, sangl'lea vellak yeunko chukanaka.
570) mam-i dit ulo hokle nonddo ditit hixe, fagur mamyom polleytit tujye gunn koxe.

517) vhor yemvchi vatt ekdom' choddovo, toxem zalo toddou vorann bhitor rigonk.
518) vhor paula ardhar ani ghantti zaleo chobkar, vhodd maga upkar vhorann bhitor soronk.
519) pois thaun aileamv ani pam-i amche voll'lle, atam soddoya koulle tumchea mandreanche.
520) amchea tea utvar goddache pelle, toyar keleat dalle tumkam kodelanchem.
521) vorann haddun yetana uddleamv ami doro, toyar kora soro atam vhor sudraunko.
522) poilo khojno soddya ani dusro khojno bhorya, laudat kontar korn vhorann bhitor haddya.

5.15 Saddo Nhesoitana Vovio

Horetachea mattvant vorann bhitor ghetlea uprantlem mohotvachem karyem zaunasa hoklek saddo nhesomvchem. Saddo nhesounko hoklek apoun vhortana hoklegelea striyankyi saddo nhesomvcheakhatir amontrit kortat. Adim mattvantch striyo hoklechea bhomvari veddo ghaln hoklek saddo nesoitalim. Hea sondorbhar dadleank ovkas natl'lo. Aichea kallar saddo bondh kuddant nesoitat ani thoddeo striyo matr thoimsor logti zal'leo vovio mhonntat. Adlea kallar saddo nhesoitana donyi paddtim modhem voviancho spordho choltalo.

Axem vovianchea madhyoman hoklek horyek thorachi chotrai, zannvai, soloha ani kazari jivit mhollear kitem mholl'llem voviam mukhantr somzonni ditat. Toxench noureagelea ghorannea vixeant vivorsitat.Hea vellar mhonncheo vovio axeo asat.

523) bharik ximvon xivonk ghalea dorjea, nhesoyat bhurgeak amchea vhoklek.
524) sureacha udevak kallok pois sorla, saddo nhesoitana mattvant ujvadd fankla.
525) sodd sodd vhokle ankvarponna naddo, ami haddla saddo tuka nhesomvcheak.
526) sodd sodd vhokle ankvarponna nhesann, aichean zalem sasonn tuka silvagelem.
527) bhangarachea pettula rupiache khonn, tantum asa vhodd tujem ayaponn.
528) bhangarachea tamblerak rupiache konn, tantum asa dhon hokle ayaponn.
529) pidd'ddukecho podd dhortana zodd, ayaponn vhodd hokle somsarant.
530) bapaichea chukik putak mellat xikxa, vovianchi bhikxa ami magon aileamv.
531) bara pauttim uttlo yejman bara pauttim boslo, saddo molaitana munddu tacho suttlo.
532) bokddi amchi dhovi, gai amchi kobli, saddear atam sobhli amchi vhokal bai.
533) bhair bhitor vetana hokal chol soukas, chotrayeche bhave hokle ghora asat.
534) bhatachye raxim kombien ghala tantim, vinchun haddlam motim amchea vhoretan.
535) bhangarachi mudi kirongolli bottak chenchli, hi soirik ruchli amkam somestank.
536) bhangarachye surie rupiachem thorum, resper kel'lea vigarak devo borem korum.
537) bhurgo gelo iskolak xirkaun novem izar, kelea xivai rozar hokle nidanaka.

490) fula bhangaran saddo nettoila, vhodda dobazan hoklechea mattvak dhaddun dia.
491) fulam haddunk gel'lo yejmani penttent urlo, ghorchea fulamni nonddamni saddo bhorlo.
492) vhoretababa vhodd tuzo vaddo, mattvim bhor saddo fulam bhangaran.
493) vhoretan zoddla az lognacho bhes, rosmacho les hea saddea voir.
494) yejman saddo soddoita polleya tumi vhoulleo, gulobi ghoddio mattvim pormollaileo.
495) yejmani baye golleant tujea kont, lagim hadd pont tea lesachem.
496) amchea gotteant koblye gaicho paddo, roza magon yejmani band saddo.
497) rosmachea saddeak bhangaracho palomv, sogllo vaddo gazomv hokle vhoddvik.
498) rosmacho saddo zori fulamni sobhta, sobhagechea hoklek az nhesounko asa.
499) roximachea saddeak deg zorichi, saddo bhortana urba choddli voulleanchi.
500) hea ghora kazar dhuvekgi putak, koroli yeta eka novea sutak.
501) heavi saddear komrballogi pat, hea saddeacho mant sogllea mattvant.
502) koddeallchye penttent vikunk ghalea suntt, ornun ghal gantt tea lesachi.
503) teavi bhottkollgarachi amkam natli vollok, dolleank ailo kallok saddo molaitana.
504) saddo bhorche yejmani sontosan bhor, novea sunek gheun ghor bhor.

5.14 Vor Bhitor Ghetana Vovio

Horetachea mattvant saddo bhorn sombhroman bendda vhajpar to saddo hoklechea mattvak haddcho asl'lo. Thoim thaun saddea borabor horet ani hokle sangata, vorann bendda vhajpan porot horetachea mattvak yetalem. Vorann bhitor ghetana vovio axeo asat.

505) bhailean ailo vhor ani angnnant nachtat mor, besamv diunko yetit novoyi kor.
506) bhailean ailo vhor ani yejman zalea khuxi, mukar dhaddlea boxi champea dumpelichi.
507) bhailean ailo vhor ani davon ailim ballkam, sobhayechim sallkam anzamni uddoilim.
508) mez almar ghoddn mezar dourleant kontam, resper zaun aileant dogam-i bhagevontam.
509) yejmanichea humbrar gulob zhollzoll'lleat, viz dive porzoll'lleat tumcha resperak.
510) resper zaun pient ghalo hat, besamvam dige sat sontani pileadak.
511) dave kuxicho vanjel ujve kuxik haddlo, sakrament zoddlo dogam-i ankvareamni.
512) ubarili maddi ani pintarili sontan, ruzar mai yeta mantan vorannak besamv diunko.
513) sorvoi vostur nheson hosti voilean choddlo, ujvadd poddlo sogllea bendurant.
514) amchea ghora muklean girbojencho mell, itlo kitem vell horeta hoklek haddunk.
515) asl'lem bhangar ghalem tinnem addou, kiteak horeta toddou vorann bhitor sorunk.
516) vhor yemvche vatter natlo tumkam koddou, koso zalo toddou vorann bhitor rigonk.

468) resperacho bhes bandla ekye dorie, besamv dige maye sorginche virza morye.
469) bhangarachem suriek rupeachem thorum, resper kel'lea vigarak devo borem korum.
470) santakruz koventant dha bara madri, teg zonn padri tujea resperak.
471) palker boslelea vhoreta pattim polloun choi, mivnno dit boi tujye palkek.
472) vhoreta baba doddte keleat ghodde, bara kannghe, dhedde tujea prayeche.
473) resperak veta vhoret tallu tachi tapli, sotri dili apli ruzai vigaran.
474) resporak veta vhoret pam-i tache taple, moche dile aple korddelchea vigaran.

5.13 Saddo Bhortana Vovio

Adim hoklecho mattovo mhonnon ek astalo. Resper zaun horet ani hokal hoklechea mattvak vetalim. Horetachea paddticheo striyo horetachea mattvant ailea uprant thoimsor saddo bhorchem karyem choloun vortat. Horetachea mattvant saddo bhorn bendda vhajpacher to hoklechea mattvak vhorchem asl'lem ani thoim thaun horet ani hokal saddea sangata vorann gheun noureachea mattvak yetalim. Saddo rosmachea lesant bandhun, bhangar, kolle-obolim sangata chinche fulam manddun dourn horetachea kuttmachim mukhar haddtat.

Punn atam hokol ya horet kazarachea salak vetat zal'lean, sokallim resperak bhair sortananch saddo bhorn igorjek vhortat. Ani logna salant hoklek saddeak uttoitana saddo mukar haddtat. Hea vellar mhonncheo vovio axeo asat.

475) devabapa devaputra deva povitr atmea, kurpechea disa yejman saddo bhorta.
476) saddo haddun dourila boxie, jezuche khuxie yejman saddo bhorta.
477) saddo haddun dourila hea bankar, besamv di taka sorginchea deva bapa.
478) saddoch haddun dourila monnie, besamv di morye sorginchea virza maye.
479) saddoch haddla konnak sangon, roza magon amcha jezulagim.
480) dosim asim kodelam modhem bosla rai, saddo bandunk yejmanik roza zai.
481) rayangeli choli mattvantlean geli, saddo bhorunk yejmanik porvonngi dili.
482) saddoch haddn dourla tattant, yejman saddo bhorta modhem mattvant.
483) sonaran kel'lem bhangar dourlam tattant, saddo bhortana yejman sobhta mattvant.
484) saddea songim dourl'li dantonni chinche fulam, hoklechea mateak sobhounko vhorn aitim koream.
485) saddeachea angar bhangarachim fulam, yejmanichea ghorim az kirnn fanklam.
486) saddeache ghoddier zorichim lhan vhodd fulam, heach saddien yejmanin hoklek sobhounko chintlam.
487) saddo bhorche yejmani sontosan bhor, nove sunek gheun tujem ghor bhor.
488) saddo sumrgarila fula bhangaran, hoklechea mattvim pauya bendda tomboran.
489) saddo dourla bamycha bandhar, korolechea khandar saddo mattvim paya.

446) hadd kumbara tujem hoveatulem bann, az nhata nhann vhoret ankvarponn.
447) doreachea lhara sotri fuloi mora, nhaunko apoun vhora amcha vhoretak.
448) pez jeunko kaxeachi vattli, atam naunko uttli amchi hokal bai.
449) sanjecho vell chillipilli zata, ginddeamni nhata amchi vhokal bai.
450) vhoklege baye ang tujem movo, sabu ghas lovo az nhatastana.
451) rosachea vana ghattno zalo bhovo, ang tori movo amchye hoklechem.
452) pejek doi ani xitak dai, nhannyent nata rai amcho horet bab.

5.12 Resperak Bhair Sortana Vovio

Adlea kallar rosachea dusrea disa sokallim resper ani uprant lognachem karyem choltalem. Punn azkal rosa uprantlo dis soddn tisrea disa sokallim va sanjer resper ason donparam va ratik lognachim karyim choltat.

Logna disa sokallim samprodayik nesnnar hoklek ani horetak resperak toyar kortat ani uprant altari mukhar besamvank ubim kortat. Uprant kuttmachim malghoddim hoklek ani horetak besamv ditat. Hea vellar mhonncheo vovio axeo asat.

453) resperak bhair sorta vhoret, bhair bhitor korta, poilem besamv magta devabapalagim.
454) resperak toyar zala vhoret, bhair bhitor vheta, dusrem besamv magta vhoret devaputralagim.
455) resperak toyar zala vhoret, bhair bhitor vheta, tisrem besamv magta vhoret spirit santalagim.
456) resperak toyar zala vhoret, bhair bhitor vheta, choutem besamv magta vhoret aplea bapoilagim.
457) resperak toyar zala vhoret, bhair bhitor vheta, pachvem besamv magta vhoret aplea auylagim.
458) resperak toyar zala vhoret, bhair bhitor vheta, sovem besamv magta vhoret somest porjelagim.
459) mol dilam yejmanean lugttachea pesak, resperachea bhesak hokal aiti zalea.
460) mol dilam yejmanean gornallim khojneank, vhokal aiti zalea resperachea bhesak.
461) resperak bhair sorta vhoret bhair bhitor veta, chintun kongal zata amcho vhoret bab.
462) resperak veta vhoret sangatak konn, santissima trindadicho dusro zonn.
463) resperak veta vhoret motint dhorn tesamv, dige maye besamv saibinni kosesamv.
464) monti saibinnichea festak dogam-i irmamv, bisp saibacho xermamv tanchea resperak.
465) resperak veta vhoret bendda ani tomboran, pattim yetana ye vhoklechea sangatan.
466) resperak veta vhoreta dosturechea dorbaran, pattim yetana ye kosturechea pormollan.
467) resperak veta vhoret cholonk nozo mhonnta payamni, maullea rayamni falki haddoyili.

413) gomvacho unddo tupan tapoila, mogan apoilam, yejmanin dayijeank.
414) ankvar mai foddi narl, mori magdalen kantikayı, jezu mori mai, tegi ros lai.
415) maddtu foddi narl mhonn mornel foddi kai, sant ızobeli soit chougı ros lai.
416) deva bapa, deva putra spırıt santak, kurpechea disak yejman ros laıta.
417) aprosachye vattlek bhangaracho kes, mogacho ros tuka auy bapaicho.
418) apros niddla voilean golloit, sorgim thaun polleyt hokle bapui tuzo.
419) aprosachı vattli davigı ujvi, poilo ros laita vhokle/vhoreta auy tuji.
420) aprosache boxie motiancho ghos, mogacho ros vhokle auyicho.
421) maddacho khubo narlamni sobhta, mogachi auy hoklek ros laita.
422) nondden ghalam lonnchem, zavo ghalta dos, auy pusta ros, hokle nitt bos.
423) apros pusun, tenddle mullant nhannoya, ek utor zannoya, tanchea purvozank.
424) milavachea koitulak chinchechem thorum, soirik kel'lea mhaleak devo borem korum.
425) tel nastam toklo giri giri taplo, mogan aila baplo horeta rosa mattvant.
426) heavi mattvant baple tuje mhal, tujea bapaicha khal bapleo ros laita.
427) bapleo ros laita, monant kitem chinta, boremponn magta, tujea kazarak.
428) bhatachea raxir, boson asa kaullo, munddasgar maullo atam ros laita.
429) paus ailo itlogi titlo, undir mutlo vhoulleanchea matea voir.
430) pausch ailo itlogi titlo, undir mutlo nhoi yejmanin ros lailo.
431) sokallim gel'lo jeri ratik ailo ghorim, yejman ros pusta loka borabori.
432) yejmani baye bari tuji moza, amkaim dia roza ros pusunk.
433) mukar kiteak udd'ddatat pattlean bosa, ayil'le voulle sokkodd ros pusun vocha.

5.11 Nhaunko Vetana Vovio

Rosa disa tambeachea bannant udak tapoun dourn ros pusun zal'lench horetak va hoklek nhannounko apoun vortat. Auy ani kuttmachim hoklek va horetak tea dis ankvarponnachem nimannem nhann nhannoitat. Nhaunko uttaitana va nhannoitana mhonncheo vovio axeo asat.

434) tambeachea bannim tapoilam pannim, az vhoret/vhokal nata nhann ankvarponni.
435) tambeachea bannant udak tapoilam, nhaunko apoilam amchea vhoretak.
436) dellem choddon valintlim panam tuttoya, hat diun uttoya amchea horetak.
437) ayil'lem tarum adall'llem chikla, hat dhorun ukla amchea vhoklek.
438) tambeachea bhanni, tapoilam tambann, hokal nhaunko veta bendda tomboran.
439) udak tapoun zalem khorkilo, az naunko veta silvangelo pilo.
440) bavechi kamb baver tasea, aprosan ghasea amcha vhoretak.
441) maddyechi kamb bharik tasea, dhambun ghasea amchea vhoretak.
442) maddyechi kamb tasnnen tas, sabu-xikai ghaln amcha vhoretak ghas.
443) hadd kumbara aveantulem bhann, az nhata nhann vhoret ankvarponnim.
444) montifestak bhurgeank vantt'tat kobu, atam laya sabu amchea horetak.
445) hadd kumbara hadd matiechem bhann, aichan somplem vhoreta tujem ankvarponn.

381) magho mohineant paus birbiro, dolle minnkiro amcho horet bab.
382) yejmani baye mog tuzo gupit, polleunko ekdom' sobhit amcho horet bab.
383) ghora ayil'lea soireank votun di vain, sorgar asa bhoinn horeta ugddas kadd.
384) rukar pikla ponnos mullim choddtit bhiknnam, oykanaka xiknnam horeta hoklechim.
385) lobangelo cholo gunnancho fergo, xiknnam aikoncho noim bhurgo amcho horet bab.
386) gordanachea gotteant sobhai ditat goulli, bhurgim zamvdit zoullim amchea hoklek.
387) ghorachea pakear kaullo korta kaka, zoullim zalear ek mhaka, ek tuka.
388) kailir ghal'lo pollo korpon kallo zalo, vhoretan marlo dollo amchea vhoklek.
389) koddeallche penttent vikunk ghalam anglem, dollo marlo mhonnon tumkam konne sanglem?
390) bhitorlea kuddant mazargi host, sodam piddest vhokle mam-i tuji.
391) mam-i piddest mhonn naka korunk chinta, lagsar dakter asa vokot diun borem korta.
392) limbo katrun kelem xorbot, doulotecho komblo amcho horet.
393) ambo tasun ambeacho kelo kochor, doulotecho komblo mhonnon tumkam kiteak mosor?
394) haddank marunk koiti masak ghalunk xirko, poilo zamv cherko amchea hoklek.
395) Milar marli ghantt, ruzai zali ttamv, cherko zalear zamv pilead zoddtam hamv.
396) kutt'tteantli sorpolli kutt'ttea bhitor, vhoretan soirik kelea ghuttabhitor.
397) novembrant kuddpa zata soxtt, vhoretan soirik kelear tumkam kitem noxtt.
398) amchea ghorauyr andonnechi talli, kalleantli kalli horeta hokal tuji.
399) horetachea bapleacho toklo zala kodd'ddo, hoklek kalli mhonnteleancho dollo kudd'ddo.
400) ekch pil mhonnon kombi dholoita, tonddak ayil'lem uloita horet amcho.
401) magho masant subrohmonnyo xoxtth, horet uloilear tuka kitem noxtt.
402) igorjecha kuxin asa thor, yejman amchi jiben bari zor.
403) yejman baye kiteakge vogi, apoile ghugi tujea daijeank.
404) itleo vovio mhonnon pott amchem bhorlem, ani thoddeo mhonntamv mhollear penkttant amchea dhorlem.
405) itle vers gaun, amkam kitem pag, tumchea rozar magnneant amkam borem mag.
406) itleo voveo mhonnun tallo amcho poddlo, kazucho dimvcho yejmani khoimsor lipon boslo?
407) itle vers gaun tallo amcho poddlo, viski, branddi, soro, amkam dimvcheak poddlo.
408) hem ghor sobana mhonnon, khursak ailam pann, poilo dila man yejmanin daijeank.
409) koses mai yeta samkea margan, kulasa vorgan tika boska dili.
410) koses mai yeta vatt zhaddea, gogar pattollem soddea tichye pam-i vattek.
411) kombo marla masak, narl foddla rosak, jeunnak vell asa, voullim sopear bosat.
412) gaga mhollear, sangxeat mhojem namv, bhorxeat sogllo gamv, gazoun kitem hamv.

346) voilea ranant uddon gelo vag, utram fudde rag amchea vhoretak.
347) yejmaneachea voddtant ful'lim tim dutram, resperachim utram vhoreta jikun dhor.
348) voddtantlea zhaddatallver ful'la bongo, opurbayecho gonddo amcho vhoretbab.
349) yejmanichea humbrar vhodd asa pagor, bhovo asa adhar vhoreta mivnneancho.
350) yejmanichea hatant bhangaracho chuddo, sogllo bhorla vaddo vhoretachea mattvant.
351) oprosache boxie, bhangaracho bomvor, rosak bosla kumvor amcho vhoret bab.
352) altari voili kals, denne laun kaddlea, ballka soit ailea, amchi ruzai mai.
353) ambear zalem tor ani borik zalem bor, vhokal nenntem por, vhoreta zoton kor.
354) avalleachea ruka mulla rompi kuvalleachi, derachea kazarak bhavoz duvalleanchi.
355) amsann mirsang vattunk van, doddo di man vhoreta mivnneank tujea.
356) netrauti nhoint dompar bhor khube, munddasgar ube vhoreta mivnne tuje.
357) maga mohineant paus birbiro, dolle minnkiro amcho horet bab.
358) madda voili poi halon dholon poddi, doulot choddli horeta bhoinnink tujea.
359) amchea hitlant uddon gelo soso, utra fudde haso amchea vhoretak.
360) amchea vaddeantli vankddi tinkddi vatt, ujvo di hat falea resperak.
361) amgelea maddar asa ek khubo, ghottmutt ubo amcho vhoret bab.
362) hitlant choron asa gai, anjelorcho rai amcho horet bab.
363) aitar sont somea tuzo dis, ek utor sangonknam-i daijeank tuvem mudie dis.
364) rovik kazar mhonnon gamvar khobor gajli, novea soireanchea rosan razuchi mustaiki bhijli.
365) urva moidanar zomo pixeancho, kenchea mixeancho amcho vhoret bab.
366) kanank lailem vokl dolleank aili dixtt, sokddancho ixtt amcho vhoretbab.
367) kanddo bonddi khaun talleak yeta konnkonnem, mamvaddeachem annkonnem vhoreta aikanaka.
368) gulobacha zhaddak udeun ailo bongo, xegunnancho punzo amcho vhoret bab.
369) kombien kaddlim pilam urlo ek komblo, bomboi bandla bonglo amcha vhoretan.
370) Gõycho Gõykar, bhumycho bhumykar, kuvoittcho saukar amcho vhoret bab.
371) haddank marunk koito, masak ghalunk sirko, xegunnamni vorto amcho vhoret bab.
372) horet amcho bab ambadde dhaddaitalo, kazar zaina mhonnon amkam heddaitalo.
373) tannem dhaddailele ambadde amim daddamvche noim, voulleanim chiddamvchem noim amchea horetak.
374) tenne konn yeta tambddea kobayecho, bhurgea sobayecho amcho vhoret bab.
375) damaskache sotri bhangaracheo golleo, sotretholla rannio vhoreta bhoinni tujeo.
376) dhamvto ghoddo bidir ubo kelo, dheddeank sodit gelo vhoret iskolak.
377) dhovo ghoddo bandilo sumrgi, rupan fimrgi amcho vhoret bab.
378) kombyen kaddlim pilam ubon gelo komblo, karkoll bandla bonglo amcha vhoretan.
379) diveant tel, tel ghalunk tatt, pitto kora patt amchea horetachi.
380) rosachea vana ghattno zalo zodd, chorob chodd amchea horetak.

315) tapl'le kailir bhazunk ghali bakri, mhatare prayer vhokle kor mamychi chakri.
316) randvoye bhitor randvoi kasollecho kholo, sokddamvornim bhollo hokle bhavo tuzo.
317) rosak ayil'le voulle bankar mandrer bosa, tallo bhizomvcheak aputt kazucho asa.
318) tersa vellar ters, versa vellar vers, kuttmacho ters vhokle chukoinaka.
319) porum lailem zhadd amvdum urlem tadd, kaim chodd unnem zalear kullara sangon dhadd.
320) hanga ghal'li bazu bidream vochon kadd, chodd unne ailear bapaik sangon dhadd.
321) ghora pattim guddo guddea pattim ghatt, sangon dhaddxi zalear horet foddit patt.
322) tonddan vhajtat vhazantra, livrar distat letram, vigar xikoita tim utrram vhoreta jikun dhor.
323) rosachea mattva maullean dhaddla soro, jeunnak vell zalo veggim vanttlear boro.
324) muklea baglar mhaka pattlea baglar tuka, dokor kunkadd ailear zhogddem korinaka.
325) altoddichean mhaka poltoddichean tuka, oprup vatter mhell'llear ulounko ubganaka.
326) bonttvallcha penttent vikunk ghalam jirem, sokkodd ailam bhirem vhoreta kuttamb tujem.
327) lagim mamvaddo mhonnon vhoreta sodam vochanaka, kanddi bonddi randun vaddlear ghora yeun sanganaka.
328) dis udeun disak poddlim lharam, vhoret mejta vhoram aplea resperachim.
329) ghattim poddlo narl bondrar ailem khobrem, vinchun kaddlam mogrem amcha vhoretan.
330) xezara ixttak azch zala cherko, angan bollvont sarko amcho vhoret bab.
331) amchea ghora mukhar andonnecho sop, soryacho zop amchea vhoretak.
332) altarir mis, pulputrar xermamv, ruzai Milar irmamv amcho vhoret bab.
333) vaddeantle manest aileat hanga somest, polleunko dista rupest amcho vhoret bab.
334) valiche tudyer ful'lem vovall, utran movall amcho vhoret bab.
335) mug foddn mugachi keli dall, kuttmak mogall amcho vhoret bab.
336) bhair bhitor vetana putak poxetali, sunek axetali amchi yejman.
337) mamychem yejmanponn sune odhin dilem, sorgaraz zoddlem vhoreta bapain tujea.
338) maddyechi kamb suryen tasinaka, kazar zaloi dekun vhoddilank kenddinaka.
339) vhoreta baba bolsant tujea bedde, bara sod dhedde tuka sangatak.
340) vhoreta baba matear tujea chepem, bara bhoktam modhem faleam resper tujem.
341) vhoreta baba hat tuje gore, dhedde sod bore tuka sangatak.
342) vhoreta baba toddop nhes doddi, dot thoddi tori hokal kullyen bori.
343) mez almar korn mezar dourla golas, sorgar zala ul'las tujye ajiek.
344) mez almar korn mezar dourlea ginddi, sorgar ghalea dimbi vhoreta bapain tujea.
345) bhitor ghal'li mandri bhair voddinaka, kazar zalai dekun vhoddilank kenddinaka.

281) amcha gadeak ami ghalem khorem, vhoretagelem varem tujea jivak borem.
282) amcha ghora pattlean modorachi val, mam-i bhangar zalear golleak guntun ghal.
283) amcha ghora mukar kasollecho yenddo, challisamni nonddo hokle ubgonaka.
284) amcha ghorant mam-i mhoji mhal, saddi haddina zalear pindit mhoje gal.
285) amchea hitlant ambeachi sosi, futtounko na mixi vhokle vhoretak tujea.
286) halon dholon pattear damvta roil, bhari korta sttail hokle bhoinn tuji.
287) rannyechea mukuttak sobhai dita thik, sttoil korchem hokk hokle bhoinnichem.
288) mandri soddoun mandrer dourlem uxem, konnem kelem pixe hoklek kazarachem.
289) bhat boddoitana ubli bhatachi kus, prayechi dos tuka zal'lea borich.
290) amchea gotteant bandhun ghaleant vasram, jeunko yetit bachram vhokle ubganaka.
291) amchea ghora pattlean bandhun galea gai, mamyk aila vai vhokle tel lai.
292) amchea ghora mukhar bhomvta vagull, tonddant kogull vhokle nonnond tuji.
293) amchea ghora mukhar asa paz, panpalle bhaz vhokle mamvak tujea.
294) aiche ratir nid bori kadd, falea rati ankvarponna gutt sodd.
295) gulea bhitor gulo olsando gulo, faleam ghalta jhelo hokle vhoret tuka.
296) rosache ratim chandnem sogllean fanklam, ranni zalea mhonn hoklek soponn poddlam.
297) hea ghorincho yejmani khoimga gela, cherela soit mayek haddunk gela.
298) heavi mattvant bara tera disam, poilim dhaddleant misam amcha yejmanean.
299) heavi kazarak bendd ani tombor, visranaka humbor vhokle kullaricho.
300) koddeallchem penttent vikunk ghalea boxi, mogan cholxi devagelem besamv zoddxi.
301) don xer ghalchem kodden tin xer ghal, bhorl'le ghor faleam thaun samballn vhor.
302) dhenknno ghalo dekun tonddak polleun has, mogachi ras vhokle mamv tuzo.
303) maslli dhorunk xiddum, maddar choddonk khaddum, mukhari zamv cheddum amchea hoklek.
304) narlacho ros lugttant bandun gall, yemvchea vorsa tuza uskear khellom ball.
305) ghora mukhlea tolleak guddeachi zhor, yemvchea vorsa pallnnem dholounko mon kor.
306) dhenknnonch ghalo dekun dhorinaka monant, ghalonaka kanant vhokle vhoretachea.
307) kollkea gadeant barik asa guli, sobhayechi choli mamvan soirik keli.
308) tapoyil'lye kailir korunk ghalea bhakri, mhatarya prayer mamychi kor chakri.
309) tolleantli maslli chillipilli uddtali, mitteo martali hokal kazarak.
310) horet bab asa amcho khottar, faleam yeta suttar hokle resperak.
311) tollttea maddachem moddol koitean benddinaka, vhoretachea kuttmak faleam kenddinaka.
312) guddea voilea gorvank addaun ambuddn hadd, dhaddaun podd di vhokle tujea mamvak.
313) gotteantlim gorvam ambuddleant rana, nonnond ayil'lich vomtim ghal aidanam.
314) tornea mirsangechem katorn kaddlem turmann, ritval formann falea vhoi mhonn.

244) bara mudde sasamv, tera mudde jirem, vhodd asa bhirem hokle vhoretachem.
245) sokallim utton boxio vhor tollea, jeunnak yeta vella hokle der tuzo.
246) sokallim utton hatant dhor dor, tum khoim vetai zalear nonddank apoun vhor.
247) sokkodd kam' korn magir chikke bos, mam-i mamvakodde vicharn kullara yeun voch.
248) disak poddlem vot ratik poddlo dovo, polli korn di movo hokle mamvak tujea.
249) narl kantun narlachem kelem chun, udak di hun hokle mamyk tujea.
250) narl kantun narlacho kelo churo, bhangar-xingar naka hokle bhortar puro.
251) xer ghalche kodden ordho xer ghal, mulkecho nonddayo ailear buddkulo vomto ghal.
252) milavachea koitulak chinchechem thorum, mam-i jiun tarum vhokle samballn vhor.
253) milavachea koitulak chinchechem thorum, devagelem gorum hokle mam-i tuji.
254) akasacher ubta ghonn, falea yeta sun ghor ujvaddaunko.
255) igorje hitlant tambddi pachvi mati, xembor zolltit vati tujea resperak.
256) igorjechea hitlant ful'li ti pat, ujvo di hat, faleam resperak.
257) igorjechea voddtant ful'li ti damv, vigar vicharit namv tujem kitem mhonn.
258) ruzai mhoje maye naka korunk pois, kodel dourn bos hea rosalagim.
259) ruzai mai yeta samkea margan, naika vorgan tika boska dilea.
260) ruzai mai aili vonnkoli dara, manvali ghora amchea yejmanichea.
261) bayek kazar mhonn pattli bhoinn hasta, duddvamni kusta vhokle mamv tuzo.
262) misak vochun hantulln bos les, poilo kor ters hokle mamyk tujea.
263) bhitorli mandri bhair voddinaka, mam-i mandrer poddlear thoim soddinaka.
264) bhitorli mandri bhair konne voddli, kodel toyar korchi yejmaneak gorz poddli.
265) vorsak ek pautti yeun vhoch festak, visornaka attounko upkar firgoje santak.
266) valintlo bel koiten benddinaka, vingodd raveam mhonn vhoretak xikoinaka.
267) moddol katorn moddlache ir kaddit, barik chirit hokle zavo tuji.
268) mallea voilem lonnchem nisonn dourn kadd, ugddas korn vadd hokle nonddaveank tujea.
269) madda tuzo narl, kemllbea tuzo goddai, korinaka loddai tujea mam-ilagim.
270) bhitorlea kuddant tambeachem tost, jivan host vhokle mam-i tuji.
271) vatteuylo pimpoll panafoddicho, ghoddamoddincho hokle der tuzo.
272) voddtantlem zhodd koiten benddinaka, utramni vhokle mamyk khenddinaka.
273) yejmaneachea ghora bhangarachi monnoi, boroupi xennoi hokle vhoret tuzo.
274) yejmanichea hitlant valichim taddam, mamychim don haddam vhokle zoton kor.
275) yejmanichea humbrar ambea bovo ruk, thoim bhog sukh xelle saullek.
276) ayil'lea soireankodden borem korn uloi, utramni bhuloi vhoretachea kuttmak.
277) ayil'lea soireank udok mandri dixi, mhal sun zaxi faleam sozanger.
278) ayil'lea soireank, bore mhonnon hogoll, xezari mogall, tujea gunnankhal.
279) ayil'lea soireank patti korinaka, jevann dilea xivai tanka dhaddinaka.
280) amcha humbra mukar kemllbean ghalam bondd, udkaurni thondd hokle vhoret tuzo.

210) Gōya vechye vatter konnirichem pik, mudye voilem thik amchi vhokal bai.
211) gend'dea maddachi kapun kaddli xivddi, bapleanchi dhuvddi amchi hokal bai.
212) ghora muklea voddtant ful'lam sobhit ximvtem, sobhagechem nenttem amchi hokal bai.
213) ghor pois mhonnon korinaka chinta, borem kuttam' polleun vhokle dhaddlam tuka.
214) dhamvchea ghoddeak bhandila palla, bhienaka balla mhonnta auy tuji.
215) dova vorni dhovi, chondra vorni tambddi, eka neketra sangddi, amchi hokal bai.
216) choug zonn bhavo vhokle kopolinche tille, kullarinche vatte vhokle zollom dive.
217) dhovea kapddak rosmachi barik deg, rupan mannik amchi vhokalbai.
218) vhoddlo bhavo divo hokle dhaktto bhavo tatt, tea diveantli vat amchi hokal bai.
219) fulam vorchea karminna hadd ek dalem, madrink vechem cheddum kazar koxem zalem?
220) iskolachea bhurgeanchem sobhta rongall anglem, madrink vechem cheddum mhonnon tuka konne sanglem.
221) vannecho pam-i pajer nisorlo, daijeank apounko yejmani visorlo.
222) yejmanea raya kitem tujem chit, hacheaki vortem sant anton bap dit.
223) yejmani baye, bhari tujem xud'dh, minin jezun khud'd hanga yetam mhollam.
224) yejmanichea humbrar kirlat ghaleat vamygini, apoi yejmani tujea daijeank.
225) yejmanichea ghora koir bovo zala, fulam ximpit gela amcho minin jezu.
226) ayil'le male, patt porton gele, pamyxi rupoi choddoun ajien apoyile.
227) ambea tujem lonnchem alea tuji dos, aprosacho ros yejmanin toyar kela.
228) amcha ghora mukar samperichem ran, yejmani soro dita vhoddlea tambleran.
229) bhitorlea kuddant dourlea baldi, poili di kaldi amkam daijeank.
230) amchea ghora voilean ubon geli ghonn, mellonk na donn yejmaneachea daijeank.
231) amchea hea rosak sorya battleo bara, toyar doura dimvcheak voulleank.
232) zujebapak vhoullik sangonk na mhonn konnemyi ragar zamvchem naka, taka apoun haddunk yejmanean poilench iddo dhaddla.
233) abolem ful'lam bam-ilagim, borya gunnamni chol vhokle mam-ilagim.
234) amvdum layil'li val mukhari zalem tadd, ulo korn vadd vhokle mamvak tujea.
235) ayil'lea soireank patti korinaka, kaldi dilea xivai bapaik dhaddinaka.
236) bajyer nide hokle tivase sodd pam-i, puneachi mam-i hokle tuka sodam zai.
237) bhair bhitor vetana pamyank yeti voddi, bori kor koddi hokle bhaveank tujea.
238) bhair bhitor vetana antti antti mhonntit, palvak dhorn voddtit hokle ubgonaka.
239) hatantlo tuvalo vatter golloinaka, bhachram ailear vankddem polleynaka.
240) panam khunttun pananchim kelim yennam, vankddem polleunko nenna amchi hokal bai.
241) lesachea pontak bandleo don layo, sangatinni bayo ami misak vecheo.
242) sonvara dhu matem aitara ghal tel, misak ailear amkam ulounko mell.
243) lonnchem ghalunk buyamv, ambe ghalunk donn, tum uloinam-i zalear tumger yeta konn.

172) yejmaneachea ghora mukar kazuchi fadd, borem magon dhadd hokle bhamvddank tujea.
173) yejmaneacho madd ximtteamni zodd, kuttman vhodd amchi hokal bai.
174) yejmani baye poilem tujem foll, gulobachem ful amchi hokal bai.
175) sokallim utton tondd dhu zhori, ruzaicho vigar tujem resper kori.
176) sokallim udel'lo sureo sanjer buddolo, umo ditolo faleam mhaldeddo.
177) rojichea bajvek lailea olpinn, bhavanchi randpinn amchi vhokal bai.
178) allen vattun hatak ailo hulop, sobhit't gulob amchi vhokal bai.
179) poltoddche vattek ghalea konnkichi kantti, zannvayen zantti hokle zavo tuji.
180) sokallim ayil'lem vorann sanjer rautalem, uleak pautalem amchi vhokal bai.
181) lil'lik kazar mhonnon vol'li zalo ragar, fuddem koream kazar bendda tomboran.
182) muklean yeta bisp pattlean yeta kirial, kirialachem filead amchi hokal bai.
183) voir ghor sokoil gadeachi mer, mere voilem per amchi hokal bai.
184) opros haddla sorvoi sumrgarun rosak boslea kuvorn amchi vhokal bai.
185) aleachea vollir jiryanchem pall, apurbayechem ball amchi vhokalbai.
186) ami boroilem kagad paulem bellgamvant, urlo porgamvant vhokle bhavo tuzo.
187) ambeache fantte koiten sovorle, bore vavurle hokle bhavo tuje.
188) amcha vallnnek kaddlea koloi, chondremachi sobai, amchi vhokal bai.
189) amcha voddtant fulam pormolltit, vojram tholltalltit tujea mininar.
190) amchea ghora mukar rosballea kelleanchem bondd, roxim' tondd amchye hoklechem.
191) anjelbaye hi amchea ghora mukhar kemllbean ghalam bondd, udkaurni thondd amchyi vhokalbai.
192) akaxim tallvem ful'lem popall, mon movall amchea vhoklechem.
193) addsar narl temetter karvo, povitr atmo parvo hoklechea bhuzam voir.
194) adall'llelem bott lagl'lem pallak, koddiallchem sallok amchi hokal bai.
195) adall'llelem bott usall'lleli kat, benzarachi vat amchi hokal bai.
196) adall'llem bott usall'lli kat, ajien posul'li nat amchi vhokal bai.
197) ixedd'ddachem per ixedd'ddar piklem, adrixttan jiklem amchi hokal bai.
198) hatantlo limbo uddoyilo dorea, rupan sureo dista amchi hokal bai.
199) hatant bul chimttent pudd, gulobachem ful amchi hokal bai.
200) hatant dhorlear ingllo tollhatch lasta, itlem pura aikon vhokal monant hasta.
201) golleak ghalem fint, fintak ghali pin, kosesamv saibinnichi soddelittin amchi hokal bai.
202) komrballeachem pall dave davim, hoklechem gotir asa gamvan gamvim.
203) kes ugoun kesank topleo boppineo, xembhor zonnam ixttinneo amche hoklek.
204) koses mai soiri, ruzar mai ghorchi, tinnem kurpa dimvchi amchye hoklek.
205) rosballem kellem sakrint lolloit, uskear khelloit amchi hokal bai.
206) ranantlo kir ranant bhomvat, monant roddat amchi hokal bai.
207) rosall narl kant'tana karvo, spirit sant parvo tujye sorpoller.
208) udak voddunk bamyk galea dori, lobangeli nari amchi hokal bai.
209) ude ude disa udetana tambso, chondremacho arso amchi hokal bai.

134) rosacha mattvant soirim dharall, mon movall hokle bapayichem.
135) ek xer vattun votlem ami tondra, vorsam zalim pondra amchye hoklek.
136) ek rupoi dilo, suta oni suvek, yejman kazar korta malghaddea dhuvek.
137) heavi kazarak kitem zala noxtt, bhovo zale koxtt hokle bapaik tujea.
138) haddea zomkann ghalea payantholla, besamv mag balla tujea vhoddilam lagim.
139) heavi soirikek natl'lem amkam guman, maullo asa zoman hea soirikek.
140) hoklege baye golleant tujea bentinn, auy bhaglea khontin dhuvek kazar mhonn.
141) kasan kasailem ruven punzailem, sokkodd khorchon gelem priachea kazarak.
142) kazuchi kholi gudd'ddaitana voli, ekch asl'li choli yejmanean pois dili.
143) koddeall thaun ailim, uddupi yeun paulim, yejmanichea apounneak hanga yeun paulim.
144) kitem uloilеari monant tinnem soslam, putabori poslam, hokle auyn tujea.
145) itlem sokkodd ason hokle atam kitem unnem, bapui natl'lem tujem dubllem jinnem.
146) kolleam bhitor kolle pormollik panglIache, bapain kel'lo upkar faleam chintun polle.
147) doreant nachta tem uchamboll lhar, faleam yeta tar hokle tujea bhavachem.
148) dallichea sarak yejmanin dilem ponn'nn, dhuvechea kazarak bapain kaddlem rinn.
149) tollem suklem sallok bauddem zalem, tollhatachye saulle bapoin vagoilem.
150) donparanchea nisteak mitt tikke chappe, kanant keppem amchi hokal bai.
151) madrim bhitor madr amchem sisil bai, hokal keppem mhonnteleanchea jibek zamv ghai.
152) sopear ghalim panam hatar dhorunk yena, ekki vovi nenna vhokle auy tuji.
153) vhoklechi bhoinn namv maddtin, yejmaniche paddtin hamv vovio mhonntam.
154) bara rupoi diun haddlem ek tost, tegam padrinchem mis falea resperak.
155) pat fulon patik ailim konnsam, devo kurpechim utram faleam vhoi mhonn.
156) pat ful'li patik ailim konnsam, vigar vicharit vorsam tuka kitlim mhonn.
157) porlachea ponta bandlea ek ruvi, mannkuli vovi mhoji hogddayili.
158) padri mis sangta lob tacho lollta, minin jezu khellta tachea vanjelar.
159) padri mis sangta mironn uloilo, xermamv kolloilo tanchea resperacho.
160) padri mis sangta, jezu morie voir, tannim dilam dhoir amchye hoklek.
161) pan panvelichem iddo vanttun khaveam, chear vovio gaun amchi arth paveam.
162) vorsak ek pauttim bandum ami kist, tegam padrinchem fest tujea resperak.
163) mukhar ailea sominn pattlean aileamv voulleo, vanttun dige moulleo pati komrbholleancheo.
164) mandri koullun mandrecho kelo koullo, manacho voullo maullo dubai urlo.
165) maddachi chuddeti kanachi koulli, manachi vhoulli bhoinn porgamvant urli.
166) doreant nachta tem uchamboll lhar, faleam yeta tar hokle tujea bhavachem
167) bapain bandlem ghor acharean ghoddlem dar, sokddank borem magon faleam bhair sor.
168) monnyer kollo hatant vaulli, chondremachi saulli amchi hokal bai.
169) sokallim utton kes vollaitalem, dukam golloitalem amchi hokal bai.
170) voddachem foll, kaulleachem kojem, bhirmotichem vojem, amchi hokal bai.
171) panam khunttun pananchi keli yennam, vankddem polleun nenna amchi vhokal bai.

100) bara pursam bamyk tera pursam razu, khursa soit jezu, rosak besamv dit.
101) sominni maye yege tum vegim, kazar ailem lagim tujea fileadak.
102) besamv magon, hokal boslea banka, dixtt laun sorga jezu moriecher.
103) bhangarachi mudi sonaran varoili, soirik boroili sorginchea devabapan.
104) sant khuris altarar voir, tannem dilam dhoir amchea yejmaneak.
105) poili santakur, dusrem kelam tesamv, jezuchem besamv, amchye hoklek.
106) dimbi ami ghaluyam, khursachi kuru kadduyam, kurpa ami maguyam, amcha jezulagim.
107) bapain vagoilem tuka kaningi kesim, auyn vagoilem tuka unddiam ghasim.
108) bokreachea masak rosache polle, bapain kel'lo upkar sodam chintun polle.
109) bharik remv kagdar voroili, vatt zhoroili vhokle bapain tujea.
110) sokallim utt'tana hokle kullarachim chintnam, auy bapaicho mog urom kallzant sodam.
111) sokallim utton vhokle ambeank vinch, bhirmot chint tujea ovoyichi.
112) sokallim utton ghoddeak kelem malis, auy bapaichem kalliz amchi hokalbai.
113) sokallim kaddl'lim fulam, sanjer bavolim, almam pavolim heavi rosalagim.
114) sorgar asl'lea bapoi kosli tuka tan, dhuven dilam dan tuka opis mis.
115) sorginchea bamyk bhangarachem dhampnnem, vegim ailem aponnem hokle bapaik tujea.
116) sorginchea bamyk add ghala ruk, ek golloi duk hokle auyk tujea.
117) payank ghalina vhann, pottak khelem na khann, asem kelem dhon vhokle bapain tujea.
118) poixan zoddl'le, rupian punzaile, dhuvechea kazarak, bapaik khorchon gele.
119) pauschch yevun udak zalem vhalla, koxttant poddlo balla bapoi tuzo.
120) bokreachea masak rosache polle, bapain kel'lo upkar faleam chintun polle.
121) bokreachea masachem vinchun kadd hadd, bhavo yena zalear fotto kaddn dhadd.
122) vankddi tinkddi val muskar choroili, vatt zhoroili hokle bapain tujea.
123) yejmaneachea ghora mukar asa pagor, vhodd asa adhar hokle bapayicho.
124) vhoklege baye golleant tujea bentinn, auy bhorlea khontin dhuvek kazar mhonn.
125) limbo katrun limbeacheo keleo limbi, auy bapaichea besamvak vhokle ghal dimbi.
126) xiroti dourun xiroter vaddlem xit, yejmaneachem chit sam zuje voir.
127) vorsam zalim mhonnon bapain kaddlem kazar, pattim na adhar vhokle vhoreta auyk tujea.
128) yejmanichea ghora ruk bevacho, adhar devacho vhokle auyk tujea.
129) auy monant gunnest ball amchi ast, punn xikoilea tuka xist hokle bapayin tujea.
130) amchea vhallantlean vhallon geli maslli, aichean sodd paslli hokle auy bapaichi.
131) amchea ghora mukhar kemllbean ghala moko, dhuvek kazar mhonnon auyk zala dokho.
132) amcho yejmani, nhesla chokrachem puddvem, suresoreachem korvem hokle bapui tuzo.
133) rosak narl na mhonn yejman choddlo maddar, dhorlem tachea khaddak thoinchea humbleani.

84) akaxim modd dhornnik zalea xell, silvangelea choleak choliek kanim ghala tel.
85) narlela vorni tillel mel, hoklege baye tujea kanim tel.
86) ambeachea dosi, sakrichem mel, panch thembe tel vhoklechea kanim ghal.
87) kani tallve tel ghaln tallu fankoya, sobhageank apoya heayi rosalagim.
88) narlachem tel vhoreta ghottayek borem, muklem jinnem zamv tujem roglleamvinne.
89) xenn koir kaddn nitoll zalem nel, voulleank ghalem tel amche yejmanin.
90) telacho khuris hokle kopolar sobhta, kullaracho uddas kedinch visronaka.

5.10 Ros Pustana Vovio

Oputt narlacho ros zaunasa nitollayecho sonket. Ros puscho sondorbh zaunasa horetak va hoklek doihik ritin nitoll korn lognacho povitr sakrament gheunko toyar korchem. Tea dekun hoklek ya horetak narlacho ros tonddak ani angak pusun nhannomvcho somprodai rosachea kareant promukh patr gheta. Hea vellar mhonncheo vovio axeo asat.

91) aprosachi vattli kosgaran pettli, ankvar mai bhettli heavi rosalagim.
92) apros kaddla, konnak sangon, roza magon, amchea jezulagim.
93) apros kaddla, dedda volleacho, ubo ravon polleyta, putr moriecho.
94) apros kaddn, dourla boxie, jezuchye khuxie, yejmanin ros kaddla.
95) apros ros voilean gollat, sorgim thaun polleyt vhokle bapoi tuzo.
96) aprosachye boxie, muyancheo hari, ayavo nari, chougi ros lai.
97) apros haddn dourla vattlent, nouro rosak bosla modhem mattvant.
98) apros yejmanichea saula, sozangelea baulea az ros laya.
99) apros yejmanichea kanknna, dak zalea pattnna, hanga ros mhonn.

va dheddiam borabor rosak bosta. Tea uprant sombhromik ritin poilem eka kopant oputt narlachem tel ani kuler gheun horet va hoklechi auy ani tiche borabor samprodayik ritin tin, panch vo sat boxiamnim oputt narla ros gheun horet vo hoklecheo bhoinni, vonio, mauxeo, akoyo, daiji striyo mattvak yetat. Auy modhem rauta ani rosacheo boxio haddn ayil'lim heram tichea ujveak ani boglek horetak va hoklek fudd korn rautat. Telachem kop ani rosacheo boxio bankar dourtat. Her sokkodd striyo tanchea pattlean mhonnje horetachea va hoklechea mukhlean tankam veddo ghaln mholl'llebori ubim zatat. Hea vellar vovianchi sankoll axi suru zata.

67) rosch kaddun dourila nela, poilo man dila sorginchea deva bapak.
68) rosacha mattvant soirim sobar zomlim, ankvar mai pauli hoklek besamv diunko.
69) ros lamvche yejmani moni kor tesamv, dige maye besamv saibinni.
70) ros kaddla bamyichea udkan, ankvar mayechea putran rosak besamv dilam.
71) ros kaddla dedda khanddiecho, ubo ravon polleta putr moriecho.
72) haddea nisonn ani demvoya mudde, lorett mai yeta fuddem rosak besamv diunko.
73) vattlent haddla ros narla volleacho, husko mogacho hokle auyicho.
74) rosachea mattvant xirotigi pan, poilo diat man vaddeachea gurkarak.
75) ho ros haddn dourla kodela, sureo udela hokle rosalagim.
76) koses mai ubi mezar, faleam kazar tujea fileadak.
77) koses maye kodel dourn bos, az dourla ros tujea fileadak.
78) koses maye kitem tuka yevem, kodel dilam novem maye siasonn.
79) rosacho dhovo nirmollayecho gurt, dimv vhoreta arth tuje jinniek.

5.9 Kanim-Tallvek Tel Ghaltana Vovio

Poilean poilem santissima trindadik noman korun, morye mayechi, santa bhoktanchi sosai magon rosachea kareachi survat kortalim. Ros lamvche poilem kanank toxem tallvek narlel tel ghaltalim. Kopalar telacho khuris kaddtalim. Tel puscho sonket zaunasa ghottayecho. Kazar zamvchim hokol nouro poripikayek pavol'lim tornattim. Tanchea nirdharant toxench tanchea logna bhesant sthir ani dhridd ramvcheakhatir hangasor telacho upoyog kortat. Kanim tallvek tel ghalchea vixeant vovio axeo asat.

80) kani ghalem tel kopolim kaddlo khuris voikunttincho, Jezu Krist vhoretak besamv dit.
81) kanim tallve tel ghaln bosoya banka, poilo man tuka sorginchea devabapa.
82) kanim tallve tel ghalun sogllemyi angar demvlem, apurbayechem baulem amchim vhokal bai.
83) akaxim madd narl khubear, telacho khuris vhoretachea kopalar.

55) deva bapa, deva puta, deva spirit santa, kurpechea disa daiji kuvallo katorta.
56) horetare baba khandar tuza xhel, kuvallo katrunk nitoll kor nel.
57) bhoinnichea kazarak bhoinnik duvalle, kaxi kuvalle bhavan haddoyile.
58) xembhorxem kobu asat kattant, daiji kuvallo katorta modhem mattvant.
59) panpodd dhimtti suno asa tattant, daiji sorv zomleat yejmanea mattvant.
60) baltu mutti martana dhamvon yere koitana, satt sot'tor aidana heayi rosealagim.
61) chun kantlel'lea voulleamno kora tumi mordi, kapyek dilea vordi amchea yejmanin.

5.7 Ros Kaddtana Vovio

Lognachea adlea disa donparam va sanjer, vaddeagaram daiji toxem kuttmachim ros kaddunk sangata melltalim. Kuttmachea yejmanea sangata daiji mattvant ros kaddcheakhatir narl foddtalim. Ho narl kantun tache thaun oputt ros kaddtalim.Ros kaddtana axeo vovio mhonntat.

62) ros kaddchye yejmani kadd sonta khursachi kuru, sogllye porjek pavon ros adhik ur.
63) gorvank ambuddn gelo to naito, narl foddunk yejmani hadd koito.
64) donparam jeunnak nisteak maslle koddi, daijeank ghevun yejman narl foddi.
65) apros kaddla konnak sangon, roza magon amcha jezulagim.
66) narlacho ros dista aputt dhovo, kuttmasongim urom xaxvit ekvott tuzo.

5.8 Rosak Bosoitana Vovio

Donparachea vellar va sanz zatana horetak vo hoklek rosak bosoitalim. Amori, magnnem mhonnon rosachem povitr karyem survat kortalim. Tea uprant horetak va hoklek besamvak ubim kortalim. Mattvant modhem dourl'lea bankar altarik polleun horet vo hokal aplea dheddeam

40) amchea voddtant pul'leo teo lil'leo, vanttun di kunddleo yejmani daijeank.
41) zardea mohineant kumerint ful'lo gonddo, choddoya handdo atam randnner.
42) roseanche randnnik doura te dandde, choddoya handde atam adnak.
43) donparanchea jeunnak nisteak kitem guzo, daijeank apoun yejmani kor uzo.
44) roseanchye randnni kott'tteancho fog, visronaka mog tujye auyicho.
45) roseanchye randnni lailim xirputtam, voir poddlim haddkuttam hokle auyichim.

5.5 Mattvant Vojim Yetanam Vovio

Adim kazarachea khorchak zai poddcheo vostu vojeam rupar kazarachea ghora yeun pautaleo. Daiji, baple, maulle, ghorche zamvomi vojim haddn yetale. Vojeam rupar tandllache mudde, bondde, narl, ghoddai, kuvalle, xiroteo, randvoi, dukor soit sombhromik ritin vojeamni purxamva rupar kazarachea mattvak bendda vhajpar haddn yetale. Vojim mattvant haddtana ani ghorcho yejmani tankam favoto man diun tim vojim ghetana orthabhorit vovio mhonnon hea kareacho sombhrom' amchim malghoddim pachartalim.

46) ghattache boil devondit sokla, sambaracheo gonnio ata yemv ghora.
47) amsann mirsang vattunk asa van, doddto di man yejmanea zamveak tujea.
48) heavi mattvak yetat kitem vojim, yetat xembhor yejmani tujea daijeangelim.
49) kes kaddn kelxean ghalo vakor, vojear haddla dukor yejmanea mivnnean tuza.
50) daiji, zamvom-i haddn aileat ghoddai, narl, xiroteo, koroleank gheun mukar ye yejmanea atam gheunko teo.
51) yejmaneacho mattovo bandla sumbamni, dhuve zamveanchim vojim ailim bendda vajpanim.
52) bhangar tukun dilam yejmanin kempa vojrachim mudeam, kusl'lim dudeam heayi vozam voir.
53) narlel telak kapsachi vat, bhailean zali rat voullim jhemetat.
54) ttippuk ani inglezank zali ti loddai, bongalle ghoddai heavi vojeancher.

5.6 Mattvant Randap Kortana Vovio

Rosachea jeunnak kuvalleacho 'pollou' korchi rivaz amchea malghoddeanchi. Hi rivaz atamyi chalu asa. Kuvalleachea pollovak bokreamas va gamlbo bhorsunchem asa. Kazarachea ani kazarak sombondhit kareamni daijeank ek vixex sthan asl'lem. Kuvallo katrunk zamv, adan dourunk zamv, daijeank poilem hokk bandtalem. Daijea sangata kuttmachim sez-sambarachim, vaddeachim sangata mellon kuvallo xindtalim. Amchim malghoddim bhovo urben, favotea ritin, sombhroman tem kam' kortalim mholl'llem sot voviam dvarim amkam kollta.

5.3 Petticho Tandull Kaddtana Vovio

Amche malghodde krixi prodhan veapteche zaunasl'le. Tandull tanchi ovoxy khannaurvi zaunason, bhaunatmok toxem doivik monobhavachi vost. Dekun kazara sobanna disa vixes man pettentlo tandull kaddtana ditale. Kazarak mhonn yemvchea daijeank, soireank, kuttmacheank sudharsunk toxench rosa kareachea jeunnak xit toyar korunk petti thaun tandull kaddtalim. Malghoddeanchea jiunant tandllak dil'lo mohotv hea sondorbhar gamvchea voviam marifat kollta.

20) pett korchea yejmani kadd santakhursachi khuru, somest porjek pavon petti adhik ur.
21) pettich kelea nentte yejmanin, zantte sominni tichi zoton kor.
22) pettich kelea ukddigi sevo, mattvim aila devo pettik besamv divonko.
23) pettich kelea ukddi surekhal, mai yeta mal pettik besamv divonko.
24) jezu-mai yeta samkea darvattean, tanchea bhorvoxean yejmanin petti kelea.
25) jeruzolea xera koraddgi tonn, jezun daddlam menn mattva ujvaddak.
26) rozari maye pamyank tujea pamyzonnam, satt tinxim aidanam heayı pettılagim.
27) haddea nisonn, kaddeam'mi mudde, sam. Zuje bap yeta fuddem pettik besamv diunko.
28) ghorchea angnnant ful'leat pormollik kolle, petti korche yejmani utton bhair polle.
29) pettich kelea dharall mapan, udar monan ghorchea yejmanin.
30) koir kaddn uddoyile zorle, satt sot'tor vhoulle heayi pettilagim.

5.4 Xit Korunk Adan Dourtana Vovio

Rosachem, kazarachem jevann toyar korunk ek protyek suvat astali. Ani taka 'roso' mhonntalim. Ho sobd hindent 'rosoyi' mhonnje 'randpakudd' mholl'llea sobda thaun ghetla zauyet. Roseant daiji, kuttmachim, soirim dhoirim sangata mellon vhodda sombhroman jevann toyar kortalim. Rosachea toxem kazarachea jeunnak xit korunk randnnik uzo kortana ani xitak adan dourtana arthabhorit vovio gamvchea marifat amchi malghoddim ami chil'lor mhonn chintchea kamaki mohotv ditalim mholl'llem kollon yeta.

31) deva bapa, deva putra, deva spirit santa, kurpechea disa yejman adan dourta.
32) sorginchea bapa aik tum amchem magnnem, yejmanichea adnak zalam kitem unnem.
33) sominnichea kurova bhangarachi sori, daijeank kanngheun yejman adan douri.
34) morie amche maye ghe tum amchem tesamv, yejmanichea adnacher ghal tujem besamv.
35) roseache randnnik udkachem adan, mori korta rudan oplea putralagim.
36) vornachea manddeak dhamplo bavaddo, lagim mamvaddo vhoreta sodam vochanaka.
37) amchea mattvant Daizam zomleant zaitim, tanche modhem yejman amchi adan douri.
38) yejmanichea hatant bhangarachim kanknnam, dour lankddam yejmani randnik.
39) donparanchea jeunnak nisteak kitem dentto, hanga yeya voulleamno randnnik doura sontto.

5.1 mattovo ghaltana vovio

kazarachea ghora hoptea poilem sezaryank ani daijeank apoun maddie kambeancho ani kambiencho mattovo ghaln tacheuyr ani degamni indache talle bandtale.

Hem mattou ghalchem kam' vaddeagaram ani daiji mellon hoptea poilench sompoitalim. Hea vellar mhonncheo vovio he pori asat.

1) bapui na mhonn hokle naka korunk chinta, fula sangddo man tuka bhavo dita.
2) mattou zhaddun uddoila koir, sam zujen dilam dhoir amcha yejmanik.
3) mattou ghala novea maddiancho, attou kora az tumchea purvozancho.

5.2 Sambar Baddtana, Uzo Kortana ani Bhajtana Vovio

Kazarachea kareak soirim - dhoirim, kuttmadaram kazarachea hoptea adinch kuttma somet kazarachea ghora pautalim. Axem kazarak toyarai zaitea disam adinch arombh zatali. Rosachem, kazarachem jevann toyar korunk zai poddcho sambar zaitea disam fuddench toyar zatalo. Daiji, sezari, kuttmadaram eka monan kareak adharsitalim. Piav, losunn, narl oni her sambar bhazun, sukoun, kanddun taka godd ghaln komrddeanim bhorn dourchem asl'lem. Hea sambarachea pitteak 'korpo' mhonntale. Korpo kuvalleacho pollou korunk, chonne suke korunk vapartale. Korpo toyar kortana surver thaun akher poreant striyo vovio mhonnon arthabhorit thoran hem kam' choloun vortalim. Hea vellar mhonncheo vovio axeo asat.

4) devabapa, devaputa, devaspirit santa, kurpechea disa yejman sambar kaddta.
5) devabapan keli soirik anz bhoddvo malo, povitr atmo ailo, heayi sambaralagim.
6) heavi mattvant kitem tesamv, dige maye besamv hea sambarak.
7) amcha hitlant bandila boil, dovara kail atam sambarak.
8) aichea mottvant yejmanichi sozounn, novi yeuzonn kelea aichea sambarak.
9) yejmanea amcha baba ponddita, tujea ghora kanddota soll-dall.
10) randpinnichea hatank, bhangarachi kanknnam, char dour lankddam, yejmani randnnik.
11) roseache randnnik laila motto sontto, mallear asa handdo sat hatalleancho.
12) roseache randnnik dourat motto sontto, ordho dourat vantto bhoinnichea vantteak.
13) roseachea randnnik laya tori sontto, ordho uroya vantto bhavachea kazarak.
14) sureacho ujvadd mattvant pillipilli tillta, sambaracho pormoll sogllean prosarila.
15) roseache randnnir bhazat ghala melgor, akaxim pormoll jirya sambaracho.
16) ghorchea angnnant svad mogrea ximvteancho, mattvant bhorla pormoll jirya sambaracho.
17) roxeache randnnint bhorla gobor, mam-i zobbor vhokle samballn vhor.
18) donpara jeunnak randla ponnsa guzo, mogacho azo vhokle gamvant urlo.
19) donpara jeunnak randlea denttea bhaji, mogachi aji, vhokle gamvant urli.

Odhyai 5. Sondorbhatekid Vapar Zamvcheo Vovio

Vovio tondda thaun tonddak vhallon ayil'lem amchea somskritechem vhoddlem dirvem. Amchea malghoddeank xikap natl'lem tori somskritek tannim dil'lem dennem polletana azap bhogta. Horyeka sadea gaupean sondorbhak, vixoyak sori zaun apli zannvai ani somzonni vaparn vovio ghoddun gaileo ani axem vovianchem khozan zalem. Horyeka sahitik prokaracher, vellakallacho, thollacho toxench dharmik, razoki-i, arthik, samajik vaddaullicho, bodlapacho probhavo poddcho sohoz, toxem voviam somskriticheryi ho probhavo poddla. Ozun vellakallak, poristhitek sori zaun vovio ghoddchem dison yeta ani axem vovianchem bhonddar vaddon'nch yeta. Atanchea kallak ani poristhitek sukt zaun ghoddl'leo vovio cholaunnek yetat. Kazarachea horyeka kareak sombondhit vovio asat. Heo vovio vachun porixilon korn sondorbhatekid hea pori vanttun ghalyet.

1) mattovo ghaltana,
2) sambar kaddtana, uzo kortana ani bhajtana,
3) petticho tandull kaddtana,
4) xit korunk adan dourtana,
5) mattvant vojim yetana,
6) mattvant randap kortana,
7) ros kaddtana,
8) rosak bosoitana,
9) kanim-tallvek tel ghaltana,
10) ros pustana,
11) nhaunko vetana,
12) resperak bhair sortana,
13) saddo bhortana,
14) vor bhitor ghetana,
15) saddo nhesoitana,
16) pulam malltana,
17) bhangar ghaltana,
18) sovear bostana,
19) ayer kortana, iteadi.

- vovio Daiz samballun dourcheo vatto sodunk,
- Konknni somskritent voviancho mohvot somzon gheunko,
- samprodayik voviank ani odhunik voviank tofaut asa tor parkunk,
- samprodayik voviancho tallo (gamvchi rit) ani adhunik kallar voviancho tallo (gamvchi rit) hanche modhem vyoteas parkunk,
- aichea kallar voviam somskritichi porigot somzonk,
- aichea kallar amchea kazar sobannamni voviancho vapar koso zata mholl'llo vimorso korunk,
- noveo vovio songroh korunk,
- labhl'lea vovianchem vixlexonn korunk,
- voviam Daiz mukari samballn vorchekhatir soloha suchonam apnnaunko.

4.2 Sonxodhik Sodnam Korunk Vaparl'li Vidhanam

- edoll mhonnasor borpim rupim progott zal'leo vovio sangata ghalchi prokria.
- Adlea kallar kazaravellim voviancho vapar koso zatalo mholl'lli mahet zoddcheakhatir vividh gamvchea malghoddeank ani tornatteank bhetton sondorxon gheun gorjechi bhorpur mahet ghemvchi.
- Prostut kallachea rosachea mattvank bhett diun vovio gamvchi rit, vyoteas, vixlexonn korun tedakhol korche.
- Prostut kallar voviamvixim lokak somzonni koxi asa. Hea somskritechem palon zata va nam hea vixim somzonni zoddunk somikxa korn onkdde sankdde zomomvche ani vixlexonn korchem.
- Voviamvixim labhl'lea sahiteachem songrohonn korn, vividh Konknni somstheanchea pustok bhonddarank bhett diun pustokanchem adhyoin korn, labhl'leo siddi vikreak gheun aikonchem ani vixlexonn korchem.

Odhyai 4. Sonxodhachi Gorz ani Ud'dex

Canara Konknni katolik kazara sobannamni voviancho vapar ozun zata tori mhaka dhosl'lea hea soulank zovabi sodhun kaddcho nirvog asl'lo.

- Odlo samskritik mohotv (ovvolponn) otanchea voviamni asagi?
- aichea kazaranchea kareamni bhaddeak vovianchea pongddak haddun, koulli va siddi vaparn, pustokam polleun somskriti pallizai mholl'llea khatir vovio mhonnchem dista. Axench mukhar gelear, mull somskriti jivall urat?
- vovio rochl'leo tornattea kazari zoddeank kazara vellar budball sangunk, tanchem vornnon korunk, thodde tomaxe korunk oni bhavaddtachim sotam ugddas kaddunk, amkam malghoddeam thaun ayil'lem Daiz. Punn prostut poristhiti vidrup kelea toxi dista. Hi poristhiti koxi bodli koryet?
- Konknni bhurgeank ani tornatteank azkal omchim grest vovio somskriti visron gelea toxem dista. Tamnnim fokot prekxok zaun ramvchem ani aikonchem amkam dista. Tanche thoim voviancho mog ani mohotv koso choddomvcho?
- hi grest somskriti allvon vochanaxem rakchekhatir adhunik kallachea obhiruchi ani bodlaunnetekid hondvonn korchekhatir nove talle, novem akorxit songit vaparl'leurvim mull somskriti urtagi?

hea somoseank porihar sodun kaddunk ani opurv Konknni somskriti vovio zogasannen ruta korunk sonxodhik vaur gorz asa. Hea vixim sompurnn sonxodhon konknnent edoll choll'lem disana tori thoddem proitn Gõyant toxem mongllurant zal'lem amkam borpam mukantr vachunk mellta. Hea voilea soulank ani somoseank porihar sodun kaddche dixen lhan proitn hea sonxodhik pustokant kelam.

4.1 Hea Sonxodhik Pustokacho Ud'dex:

- Konknni lokvedacho mull zaunasl'lea vovianchi pattbhum-i ani mohotv somzonk,
- adlea voviank ani odhunik voviank vyoteas parkunk,
- vovianchi aichi porigot ani vapar vixlexonn korunk,

Odhyai 3. Canarant Katolik Voviam Somskriti

Konkonni Sonxodhok Ma. Ba. Pratap Naik J.S. Pormannem hindu somaz tanchea samajik toxem dharmik kareamni vovio arombh zal'leo mhonnta. Ani tea voviamni hindu devo deutancho ul'lek asa.

Porchugisanchea kallar konveddtor zal'lea kristamvamni tea voviamni gonnopoti osl'lekodde jezu kelem. Santerimai kaddn rozar saibinn kelem. Hea vorvim vovio kristamv xikxonn dimvki (dotorn) ek hater zalem.

Mongllurchea katolik Konknni somskritichim pallam Gõyam thaun aileant. Choddunnem ottravea xekddeachea arombhar Gõyam thaun polln ayil'le kristamv tanche sangata kontaram, podam songim Konknni somskriti, vovio vers gheun mongllurak aile mhonn choritra sangta.Konknni kristamv protyek zaun kazara sobannam karyokromamni sondorbhatekid vovio rochun gaitalim mholl'llem choritre thaun amkam kollta. (mogrem karonn-Xri Paul Moras - pan sonkho 258).

Konknni somskritent lokved git-songit promukh patr gheta. Hantu vovio, vers ozuni amchea mongllurchea kazar sobannamni jivont dista. Hea vorvim amchim karyim samskritik sobannam grest asat.

Canara Konknni katolik somudayachea somskritent gayanak vixes sthan asa. Vovio vers hea gayanacho ek oprup prokar.Xikpi oxikpi, dubllo grest, dadlo ani stri mholl'llo bhed nastana sokddamni gaunko zamvchem tonddpi sahity vovio vers. (bhailean ailo vhor - vovio vers songrohonn - Xrimoti Irine Rebello - pan sonkho 16)

vovio vers amchea Canara Konknni lokachem khaxelemponn. Hea voviamni devobhokt asa. Morie mayek, santa bhoktank man asa. Hokle noureachi vhollok diunko, budball sangunk, malghoddeancho axirvad magonk, malghoddeank gourou diunko ulo hea voviamni asa mhonnta Herolpius aplea Konknni kristamv kazaram pustokant (pan sonkho 24-25).

Canara Konknni kristamvachea logna sombondhit kareamni vovio prodhan akorxonn zaunason kareachi sobhai choddoitat matr nhoim amchea somskritechea grestkayechi vollok korn ditat.Xikpi-oxikpi, dubllo-grest mholl'llo bhed nastanam sokddam voviank mohotv ditat.

Adlea kallar amchea mongllurant kazaram sobhannam oprup asl'lim. Hea vorvim kuttmache sande ani soire hoptea poilench sangata melltalim. Mattovo ghaln arombh zal'lem karyem portaponnant somptalem. Kazarachea adlea disa rosachem karyem manddun haddtale. Hea vellar dadle soglle sorbarai korcheant ani randpant mogn zatana striyo magnnem, vovio mhonnon samskritik rongan sobhoitalim. Malghoddim slrinedhoirim hokle noureak budball sangun hea mukantr lognachea sakramentak toyar kortalim. Dusro dis kazarachea sombhromacho dis. Tea disa mattvant saddo nesoitana ani bhangar ghaltana orthabhorit vovio mhonnon hokle noureak somzonni, budball ani protsah ditalim.

2.1 Vovio Mhonnchi Rit

18 vea xekddeant vovio Gõyant prokheat zaunasl'leo. Choddunnem eknnisavea xekddeachea modgat poreant vovio kazara vellar gamvchim podam zaunason, Gõychea songitachem prokheat protirup zaunasl'lem. Otam Gõyant xheramni heo vovio mhonnchi rivaz allvon gelea zaleari kaim holl'llemni kristamvachea ghoramni ani gouddi oni kunnbi hanchea lognancha kareavellim vovio mhonntat mhonn aikonk mellta.

Ekli vovi mhonnta tor heram sokddam vove mhonnon poilenchea ardhea vakeachea okhericho sobd taka kuddsun tachea uprantlem ordhem vaky poilencheach tallean gamvchem zaunasa vovio mhonnchi rit. Poilem ek vovi ekli mhonnta. Tache uprant sokddam zap ditat. Horyek vovi don pauttim mhonntat.

Konknni bhaxent ollkonchea voviek ek kovitechem rup asa. Teo char vollinche oason, samany zaun survileo tin volli lamb ani prasabhorit astat. Nimanni voll mottvi ason choddaut prasarohit asta. Poilencheo tin volli panch thaun pondra okxoram ani chouti voll tin thaun choddunnem tera okxoram astat. Songitant 'vovi' chariy vollink tall dita.

Drixttantak -

(1) survileo tin volli prasabhorit nimanni voll prasarohit

1. Aprosachi vattli
kasgaran pettli
ruzai mam-i bhettli
hea rosalagim

2. Sonarache salle
disak dive zolle
chondr sureo khelle
tuje pidd'dduker

3. Kirongolli mudi
usoll'lli ti bidi
kulloivonti sodi
amcho yejmani

(2) thoddea voveamni chariy pongti ekachch thoran okher zatat

1. Kombo marum masa
narl poddum rosa
jeunnak vell asa
voullim sopear bosa

2. Kira tuza bonchi
sallcho tandu vinchi
saller khoincha gamvchi
voretan parkun sangchi

(3) zaitea voveani dusri ani tisri pongti ekachch thoran oker zatat.

1. Sokallim mall'llim fulam
sanjer bavolim
alma pavolim
ya rosalagim

2. Tolleacha bandar
choron geli kurli
porgamvant urli
yejmani zavo tuji

(4) zaitea voveani dusri ani chouti pongti ekachch thoran oker zatat.

1. Tambeachi bhanni
tapoilam panni
vokal nata nann
az ankvarponni

(Odhar: Mogrem Karonn - Xri Paul Moras -pan sonkho 256-257)

Odhyai 2. Vovio Mhollear Kitem?

Vovio vers Konknni lokvedacho mullavo dakhlo. Vovi sobdachem samskritik mull vro/vri, mhollear vinchounn. Kazarachiprai bhorl'lim cholo ani choli aplea puddarachi vinchounn kortat. Hea sondorbhar hea zoddeak budball sangunk, tanchi proxomsa korunk va il'le tomaxe korunk voviancho proyog zatalo. (Odhar: mogrem karonn - Xri Paul Moras-pan sonkho 256)

konni apoitana o.... Mholl'lli zovab ditat. Toxench vovio mhonntana ekli suru korta. Tika zovab zaun onyekli vhoive ya ove.... Mhonnta. BohuxaH hea pattbhumyt 'vovio' mholl'llem namv ailamyi zauyet.

Vovio don vakeam sangata mellon pras ghaln gamvchem ek gain. Adlim amchim malghoddim zannvayen, anbogan bhoron, hi zannvai ani onbog tornatteank tanchem kuttam' bandhun haddcheak voviam rupar vantt'talim. Konknni bhaxechea utranchi grestkai, zannvai ani anbogachi zhor hea voviam marifat vhalltali. Lokachem mon ani gomon kareant voddn dourchi sokot voviank asa. (Odhar: bhailean ailo vhor - Xrimoti Irine Rebello - pan sonkho 23)

vovio Konknni lokved sahitik Daizantlim amuly ani vixixtt vojram, zanchem sthan-man konknnent oputt ani nitoll urlam. Totkalin somajichye jinnyek arso dhorl'leabori aschea hea kovitenchea xikpaurvim monovoigoneanik, somaz-xastri-i ani manou-xastri-i dixttimni monxachea vaddaullechim mettam parkunk zatat mhonn he vatten choll'le zannari sangtat. 'vovio vers ghoddl'le naddkar zalearyi bhere nohim, punn susomskrit ani sumrgari lok mhonn kollta. Hea podamni vyokti vorni somajek, ekleachea gunna vorni riti-rivajink choddit moread ani sthan dilam. Samajik jinnyent matr nohim, dharmik likhitantyi voviancho patr vorto asa' mhonnta Xri siril maddta, (Konknni Daiz, Sam Luvis Colez Konknni somstho, pan sonkho 45).

'vovio' ondu karyokromoun'nu mun'noddesuvo, chendogannisuvo ud'dexodindo hadduvo gitegollo songroho endu molnottokke kannut'todeyadoru ovugollol'li oparo samajiko margodorxonodo bellokon'nu navu gurutisut'teve. Konkonni zonangodo charitriko bellounnigeyo hollohugollu il'li minchi maivagut'tove. Vivaho sondorbhodol'li vodhuvororige ogotyo samajiko margodorxonoun'nu il'li odogisolagide. Konkonni zanopodo moukhiko sahityovu konkonni likhito sahityodo mele ton'no vistroto probhauvon'nu biride en'nuvudon'nu nissonxoivagi hellobohudagide. Axem mhonnta 'konkonni kosturi' pustokant Xri Stephen Quadros Permude [pan sonkho 23, 25].

tum rid'dhi sid'dhichea dataru
kripanidhi korunnakoru
tum sorv sukhachea sagoru
odi ontu natodde

heach prokar Gõyant ani mongllurant ghoddl'lim bhoktik gitamyi voviam rupar asat. Dakleak,

Ssum'msamv dis
nirmoll vor
anz bhoddve gayan korti
novoyi kor.

Fantear kombea sadari
ankvar mori osli dheanari
anz gabriel bhoddvo yeun
dili tika ek khobari

Voviam prokar ani olonkar, baravea thaun choudavea xekddeant 1270-1350 isve modhem sonto namo devan boroyil'leo kovita vovie rupim asat mhonn togone sangtat.

Pavo ga datara, pavo ga datara
tum nondolo jhilo, mhaka foddoko di
mim himvan melim, ghe mhozo koito
deva payam poddlim.

Ponnojechea Xrimoti Priyodorxini Taddkoddkor hinnem kel'lea sonxodha pormannem chil'loi ball ani izak ball kovita vovie rupar asa.

Chil'loi ball
chil'loi, kongonni tacha
auyk ekloch ball

izak ball
abramv ani sarek
izak ekloch put

mull goneanexvori
az xrounnendria pikolem
je yennem gita nidhan dekhelem
atam svopnnochi hem tukolem
sachasori sem

(Odhar: mogrem karonn-Xri Paul Moras - pan sonkho 227-230).

somskriti mhollear lokachi dispoddti jiun rit. *(Cultural Anthropology - New York, Knopf –Herskovits - 1955).* Monis asl'leakodde somskriti asa mhonnta horskovitts. Sir Edward Tailorchea utramni somskriti mhollear monxean zoddl'le somest vixoi ottapta. Eka vyoktichea dispoddtea jinnyecheo riti rivaji, ochar vichar, kola sahity, ani monoronzon iteadi ottapun asa.

1.2 Vovianchi Choritra ani Lokved Sahity

Ottravea xekddeant kazaracheo vovio Gõyant prokheat asl'leo. Zuje Pereira ani Michael Martins hamnnim boroyil'lea 'song af gova' hea pustokant vovi, vers, zoti mullavi zaun kristamvanchea kazarak sombondh zal'leo tori uprant itor vixoyank vapartale mhonn kolloilam. (Odhar: mogrem karonn - Xri Paul Moras -pan sonkho 256-257)

Jonas Belis mholl'lleachea utramni *"Folklore is not a science about a folk but, the traditional folk science and folk poetry"* mhonnje 'lokved mholl'llem eka lokveda vixeant vigonean nhoi bogar tem samprodayik vigonean ani lokved kauy' mholl'llem spoxtt zata. Axem lokved adivasinchea ani nagorik somajechea samprodayik rochnancho zomo mhonn lektat. Sadea utramnim mhonnchem zalear lokachea tondda thaun tonddak, pillge thaun pillgek demvon ayil'lem tonddpaxim sahity. Dekun Arthor Tailor mhonnta *"Folklore consists of materials that are handed on traditionally from generation to generation without a reliable ascription to an inventor or author".*

Amchea Konknni somajent purvilea kallar thaun logna iteadi samskritik somarombha vellar vovio vers gamvchi souy asl'lean songitachi vhollok, ginean ani abhiruch adim'maga thaun malghoddeank asl'li mhonncheak sobar purave zhollkotat.

Samajik jinnyent matr nhoim, dharmik achoronnamni voviancho patr vorto asa. Ma. Ba. Tomas Stephens (1549-1619) konknnecho poilo mohan boroinnar ani inglix mixonori hannem rochl'lem kristapurann vovianchea rupar asa. Dakleak,

O nomo vixvobhorita
deva bapa sorvo somortha
poromexvora sotyounta
svorgo prithvicheya rochonnara

Odhyai 1. Konknni somskriti

Amchi Konknni Somskriti bhovo puraton. Nana thorachea koxtt-sonkoxttank fudd korn azun sundor ani jivall asa. Songit, nach, nattok, kola, iokved, khann, nhesonn, riti-rivaji, festam porbo ani gitam-gayan he soglle prokar somskritechea axroyakhal yetat.

Konknni lok bhovo grest tonddi sahity apnnayil'lo lok. Konknnent asche titlem grest gayanatmok tonddi sahity dusrea khonchea bhaxenti na mhonnyet. Hem tonddi sahity rupamni va sonkhean toxench sondorbhak sori zaun gaupak aschea aukasan grest zaunko paulam. Dekhik-kannio, podam, gannam, mhonn'nneo, huminneo, manddo ani dulpodam, kontaram, vers ani vovio.

Itli grest somskriti ji amchem Daiz ani hea Daizache varesdar ami mhonntana amkam Konknni mayechea bhurgeank hem Daiz zogoun, posun, vaddoun, sumrgaraun oniki chodd grest korn mukhleapillgek hatantor korcho kaidoyi bandta. Konknni somskritechi sarki vhollok amkam Konknni mayechea bhurgeank oniki zaunko na tem sot. Tor hea dixen proitnachi khonddit gorz asa. Tor poilean somskriti mhollear kitem mhonn somzon gheveam.

1.1 Somskriti Mhollear Kitem?

Latea bhaxentlea 'koltura' ani french bhaxentlea 'koltus' mholl'llea sobdam thaun 'kolchor' mhonnje 'somskriti' mholl'llo sobd aila. Hea doni sobdancho arth vaddomvchem, vagomvchem, lamvchem, romvchem mhonnon zata.

Monxeamni aplea zonangache ya somudayache kolaprokar, jinnye rit, zannvai, vyouhar, samajik sombondh, razoki-i sthiti, achar-vichar, jinnyechim molam, veapt, toxench jivitak sombondhit achoronnam, riti rivaji, somprodai apnna thoim vaddoun gheun muklea pillgek hatantor korchi prokriach somskriti.

Monxachea bhaxedvarim somskriti eka zonanga thaun anyek zonangak hatantor zata. Songit, nach, nhesonn, kola, gitam, matr nhoi bogar monxea jivitak sombondh zal'le sobar her vixoi attapta. (Odhar: bhailean ailo vhor -Xrimoti Irine Rebello - pan sonkho 11-12)

Obhar

Hea mhojea kenora katolik kazaramni vovio mholl'llo sonxodhik pustok progott korunk odhar dil'leank, sondorxon dil'leank, somikxa cholounko odhar dil'leank, gorje tekid zokti mahet dil'lea manest manestinnincho ani her sorvancho obhar mandta.

Hea mhojea sonxodhik vaurachea onkdde-sankdde zomomvchea proxnaullik purok zovab diun sohokar dil'lea manest manestinnink dinvas mhonntam.

Sondorxona mukantr mahet ani obhiprai diun sohokar dil'lea Mo. Denis Moras Prabhu, odlo vigar jeral, Mongllur diesez, Ba. Pratap Naik J.S., Gõy, Shri Roy Castelino, Odlo adhyokx, Karnataka Konkani Sahitya Academy, Mongllur, Shrimoti Irine Rebello, Kulshekar, Shree Audi Rego, Bendur, Shree Victor Lobo, Bajal, Shrimoti Florin Sequeiraa, Kulshekar hancho upkar attoitam.

Toxench Shrimoti Magdelin Aranha, Gantalkatte, Shrimoti Florin Fernandis, Kinnigoli, Shrimoti Eulin Montero, Vamanjur, Shree Cyprian Pinto, Gantalkatte, Shrimoti Gretta Aranha, Gantalkatte, Shrimoti Gracy Lasrado, Moodbidri, Shree Alwyn Menezes, Gantalkatte, Shree Sunil Miranda, Gantalkatte, Shree John Montero, Milar, Shrimoti Lavina Montero, Milar hanchoi upkar bhavuddtam.

Hea mhojea pustokak sondex dil'lea mongllur diesejicho nivrit't bisp O. Ma. Do. Luis Paul Soz hancho, prostaun boroyil'lea milar firgojeche vigar toxench milar videasomstheache sonchalok Ma. Ba. Joseph Lobo hancho obhar mandtam.

Pottografi ani tantrik sohai odogsil'lea Shree Rayson Pinto ani kon'noddant kompyuttor ttoiping kel'lea Shrimoti Carol Tauro hancho upkar bhavuddtam.

Hem pustok nazuk thoran chhapun dil'lea 'Konkonngar Prokaxon' toxench pustok ISBN songim tin lipianim progott korunk sorv riticho odhar dil'lea mhozo mitr manest Valley Quadros hancho abhar mandtam.

Ho pustok chhapunk eka protiek sorisumar 350 rupoi khorch bosta. Tori zubleva suvallear lokak riyaite dorer orpunk hamvem yozon ghal'lem. Hea vellar odlo videarthi toxench obhimani mitr Shree John Erol Samuelalagim hi gozal vyokt kortana to ugtea monan hea pustokacho poxok zaunko mukar ailo. Taka mhoje abhar oni devachim vinchnnar axirvadam magtam.

25-04-2020

Ma. Ba. Michael Santhumayor
Milar, Mongllur.

kallar dharall mapan dista. Hi prostut porigot vovio mholl'llea Konknni lokved ani Konknni somskritichea mull chintpak ani ud'dexak virodh veta. Malghoddeam thaun amkam labhl'lem hem somskritechem Daiz koxem hea kallaryi jivall douryet ani koxem mukar voryet mholl'llem hea pustokant sonxodhik vidhanan thoddem proitn kelam.

Ba. Michael Santhumayor

Boroinnar

Ma. Ba. Michael Santhumayor

Zonon : 10-04-1965, Hospett

Yazoki Dikxa : 25-04-1995

Xikap : Totvxastr ani Devoxastr - Sam Juze Seminori, Jeppu
M.A. Orthxastr – Mysore Vixvovideaniloi
M.B.A - Sikkim Manipal Vixvovideaniloi
M.Phil. - Dr. C.Vi. Raman vixvovideaniloi, Bhilaspur.
M.A. Konknni - Mongllur Vixvovideaniloi
B.Ed - Indira Gandhi Mukt Vixvovideaniloi, Delhi

Yazoki Seva : 1995-2000 - Sohaik Vigar - Bellmonn, Ruzai Cathedrol ani Koleannpur
2001-2003 - Vigar, Ganttalkatte ani Uponeasok, Ruzai Podvepurv Colez
2004-2015 - Principal - Padua Podvepurv ani Podve Colez
2015 thaun - Principal, Milar Colez ani Nirdexok Milar Videasomsthe, Mongllur.

Prostut Patto : Ma. Ba Michael Santumayor
Principal, Milagrese Colez, Mongllur - 575001

Moboil : 9845165382

Email : michaelsanthumayor@yahoo.co.in

Survilem Utor

Ut'tor bharotant zom'l'lo Konknni lok kromenn karonnantor poinn korn sogllea konkonn pott'ttir vistarle. Hea konknneani aplea jinnyechea godd ani koddu ghodditank tanchea kuddint jiroun, motint voroun, kallzachea gunddaye thaun umalll'lim bhognnanch lokved tonddi sahity.

Canara Konknni katolik somudayachea somskritent adim thaun gayanak ek vixex sthan asa. Gayan amchea thoraull kareank sobhai ani orth dita. Logna sobann kareamni vovio vers prodhan okorxonn zaun kareachi sobhai choddoitatani Konknni somskritechi grestkai ukoln dhortat. Vovio Konknni somskritechea opurv toxem khaxelea Daizantlim bhovo moladhik motiam zaun ozun porzollon asat ani Konknni somskritechi grestkai pacharun asat. Hea mukantr Konknni kristamv kazar-sobannank vovio vers sobhai zaunasat.

Vovio vers Konknni lokvedacho ani somskriticho mullavo dakhlo. Adim thaun hi somskriti omchea malghoddeamni tonddpaxim ghoddun, gaun, ozun poreant samballn omkam pauylea. Adlea kallar Konknni kazaramni samprodayik ani samskritik mohotv choddit mapan dison yetalo. Dekun Gõychea ani mongllurchea samprodayik Konknni kazaramni vovio versacho puxkoll upeog zatalo.

Adim katolik Konknni kazaracho sombhrom' hoptobor lambtalo. Mattou ghalche thaun reso, ros ani kazar mhonnon portaponnant sombhrom' somptalo. Hea sorv kareamni samskritik mohotv utton distalo. Kazarachea disamni kuttmachim malghoddim sogllim sangata mellon vovio versa mukantr hokle noureak kaim il'li budball sangonk, tanchi proxomsa korunk va il'le tomaxe korunk proitn kortalim. Tea tea sondorbhak sori zaun vovio rochun, tallo bosoun, teo gayan korchem samskritik dennem amchea malghoddeank asl'lem mholl'llem amkam spoxtt zata. Voviam mukantr amchea malghoddeanchi, samskritik grestkayesongim, orthik, samajik ani dharmik jinnyichi lagxilean zhollok ani somzonni labhta.

Punn Canarachea ozkalchea katolik kristamvanchea kazaramni paromporik riti rivaji moddun pradexik somprodai soddun, nattoki-i, yantrik, pordexi somskriticho nokol korn, azkal vovio versacho zago karyonirvohonn, khell, songit, nach ani morjen gilln soddlaxem dista.

Punn az bhaddeak monxeank haddun, koulli va siddi vaparn, pustokam polleun va her bhasanche vividh sobd vinchun somskriti pallizai mholl'llea khatir namva tekid voviancho vapar korchem oychea

	6.6	devadhin zal'leampasot vovio	51
	6.7	soiream doireank, Daizank, kuttmacheank ud'desun vovio	51
	6.8	dharmik vyoktink ud'desun vovio	52
	6.9	tomaxe korcheak vovio	52
	6.10	borem magcheo, xubhaxoi dimvcheo vovio	53
	6.11	dukhomvcheo-akman-khoddi kaddcheo vovio	53
	6.12	porgamvant asl'leam pasot vovio	54
	6.13	sezaravixim vovio	54
	6.14	kuttma jiunak vovio	54
	6.15	samajik porigot kollomvcheo vovio	55
	6.16	arthik poristhiti ani vovio	56
	6.17	itihasantlea ghodditam vixeantleo vovio	57
	6.18	her bhaxenche sobd vaparl'leo vovio	57
	6.19	vikar vovio ani arth natl'leo vovio	57
	6.20	nitoll voviam somskritint pojddeponn	58
	6.21	vovianchea sobd, rup ani arthant bodlaunn	58
	6.22	voviamni soro	59
	6.23	voviamni sombondh rupit sobdaull	59
7		Voviamni sondex	62
8		Vovi pontatt (gayil'leavoviek zovab zaun vovi)	66
9		Zomoyil'leo noveo vovio	69
10		voviam somskritivixim zanntea ani malghoddeancho obhiprai	71
	10.1	Mo. Denis Moras Prabhu	71
	10.2	Ba. Pratap Naik J.S.	71
	10.3	Xri Roy Castelino	73
	10.4	Xrimoti Irine Rebello	73
	10.5	Xri Addi Rego	74
	10.6	Xri Victor Lobo	74
	10.7	Xrimoti Florinee Sequeira	75
	10.8	vovio mhonnchea ritint tofaut	75
11		voviam somskritivixim somikxa ani vixlexonn	78
12		voviam somskritichi prostut porigot	87
13		sonxodhik sodnam	90
14		fuddar	91
		sompounni	93
		adhar gronth	94

Manddaull

Odhyai	Bhag	Vixoi	Pan
		Survilem Utor	7
		Obhar	9
1		Konknni somskriti	10
	1.1	somskriti mhollear kitem?	10
	1.2	vovianchi choritra ani lokved sahity	11
2		vovio mhollear kitem?	13
	2.1	vovio mhonnchi rit	14
3		Canarant katolik voviam somskriti	15
4		Sonxodhachi gorz ani ud'dex	16
	4.1	sonxodhik pustokacho ud'dex	16
	4.2	sonxodhik sodnam korunk vaparl'lim vidhanam	17
5		Sondorbhatekid vapar zamvcheo vovio	18
	5.1	mattovo ghaltana	19
	5.2	sambar kaddtana, uzo kortana ani bhajtana	19
	5.3	petticho tandull kaddtana	20
	5.4	xit korunk adan dourtana	20
	5.5	mattvant vojim yetana	21
	5.6	mattvant randap kortana	21
	5.7	ros kaddtana	22
	5.8	rosak bosoitana	22
	5.9	kanim-tallvek tel ghaltana	23
	5.10	ros pustana	24
	5.11	nhaunko vetana	34
	5.12	resperak bhair sortana	35
	5.13	saddo bhortana	36
	5.14	vor bhitor ghetana	37
	5.15	saddo nhesoitana	38
	5.16	pulam malltana	42
	5.17	bhangar ghaltana	44
	5.18	sovear bostana	45
	5.19	ayer kortana vovio	45
6		Vixoyavar vapar zamvcheo vovio	47
	6.1	bhavaddtak lagu zal'leo vovio	48
	6.2	hoklek ud'desun vovio	48
	6.3	horetak ud'desun vovio	49
	6.4	vhoddilank ud'desun vovio	49
	6.5	budball sangun vovio	50

Canara Catholic Kazaramni Vovio

Khonchiy bhas eka zonangathaun onyeka zonangaporoyant jivall urazoi tor tea bhaxechi somskriti toxench sahity mohotvacho patr gheta. 1912 isovent suru zal'lea 'Konkonn Dirvem' potorachea kallathaun Kannada lipientlea Konknni sahiteachem itihas ojik xembhor ani att vorosadhlem. Ani hea audent Konknni bhas, Konknni sobdhkox, Konknni somsod kel'lim pustokam bhovo thoddim. Jea mapan her prokarachem sahity; kannio, kadombori, kovita, vevegollea prokarachea lekhonanchem buk prokaxit zal'leporim Konknni odhyoinam, somsod korun prokaxit kel'lim pustokam bhovo thoddim. Ani hem pustok tea bhovo thoddea vinchonnar pustokanchea mellint oplench mholl'llem sthan aponnaita mhonnocheant dusorem utor na.

Ma|Ba|Michael Santhumayorasovem ojik 36 vorosadhim mhoji sollaull zal'lich Konknnivorovim, Konknni khatir. Konknni bhasecher, somsodhacher, odhyoyacher tankam vixes umed asli. Ani ti umed fokot yuvoprayechi nhoi. Atam monglluróchea milagris kolez tosolea eka protixttit kolejiche te prinsipal toroyi, zaiti minot korun, zaito vell khorochun Canara Konknni Catholicanchea kazoramni 'Vovio' prokaracher tannim kel'lea sonxodonachem foll zaun Konknni somajek ek opurbhayechem pustok te aplea yazoki bhes zoddl'lea ponchvis vorosachea sombhromavellar kannik ditat ani khonddit zaun fuddarant Konknni sonxod, odhyoin koropink ek bhovo upkarak poddochem pustok zatelem mhonnocheant kosoloch dubhavo na.

'Vovio' purouzamni hem bhovo zotonen sambhallun dourl'lem daiz, moukik prokararachem sahity atam hem likhit rup gheun bukarupar yeta. Karnataka Konknni Sahity Academy asa, Mongllur vixvvidheaniloyant Konknni odhyoin pittho asa. Toxench Dharwadantlea Karnataka vixvvidheaniloyant soit Konknni odhyoin pitthachem sthapon zalem. Hanchea mukhelponnakhal osolem sonxod, odhyoin kel'lem sahity fuddem ddijittol rupar ailem tor hem vinchonnar sahity Konknnichea her lipinchea, her bolinchea lokank somozunk solis zatelem mholl'llo mhozo axavad.

- Valley Quadros, Ajekar
Sompadok, Konkonngar Prokaxon
15 March 2020

Sondex

Khonchiy ek bhas, somskriti disa dispoddtem vaparn jivall dourinamv toull ti bhas va somskriti allvon veta. Amchea Konknni katolik somajechea kazaram sobhannanim demvon ayil'li vovianchi somprodai ek orthabhorit ani opurbayechi rivaz. Vovio versak amchea somajent ek vixixtt sthan asa. Purvozam thaun vallon ayil'li hi somprodai azun jivi asa tori zayitea kazaranim hacho mohotv unno zala.

Manadhik Bap. Michael Santumayoranim tancha yazoki dikxecha rupealla sombhroma sondorbhar, aplea sonxodhonam sovem porgottcho kenora katolik kazaramni vovio mholl'llo sonxodhik pustok ek vortem dennem zaunko pautolo. Hea bukantle vivoronn adlea kallacho to rosa kazarancho bhorom' ani grestkai jivo korta. Bap Michaelacho ho sonxodh vaur hogllikek favo zal'lo.

Konknni somskritichem dirvem urjit korunk, ekttam-i kel'leo heo vovio ani fuddlea pillgek paumvcheak asa kel'lem hem pustok ek zannvayechem bhonddar ani sankovo zamv mhonn hamv axetam.

Bap Joseph Jerald Lobo
Vigar - Milar Firgoz

March 03, 2020
Milar Mayechi Firgoz, Monglur

Sondex

Vovio vers amchea kenora kristamvanchem ek samskritik daiz. Amchea malghoddeamni kazaram-sobhannamvellar heo vovio vers vapar kel'lean ozun mhonnasor hi somskriti rakon samball'llea. Tori odhunik vyouharik somajechea voseak lagon az hi amchi grest somskriti oskot zaun ek dis nopomych zamvchi bhirant dhosta.

Vovio vers adlea kallar kazara poilem hokle noureak budball sangchi xikounn mhonncheak dubavo nam. Osoli grest somskriti rakon samballizai. Voviancho bhorpur vapar amchea kazaram sobhannamni korizai. Hachi ruch ani somzonni amchea yuvo pillgen zoddun ghezoi ani axem ti samballn mukar vhorizai mholl'lli mhoji axa.

Ma. Ba. Michael Santhumayor, pranxupal, Milar College, Mongllur tanchea yazoki jinnyechea rupeotsovachea suvallear kenora katolik kazaramni vovio mholl'llem pustok ugtaunnak haddta mholl'lli gozal sontosachi. Hem pustok voviam somskritek ek odhar sahity zatelem.

Voviam somskriti vixeant sonxodhon korn ho pustok toyar kel'leak tankam mhoje ul'las. Hea mukantr voviam somskritiche choddit zannvai amchea somajek toxem yuvozonnank labhom ani hi bori somskriti muklea pillgek hostantor zamv mhonn mhoji axa.

02-03-2020
Sam. Juzechi Seminori,Jeppu

O. Ma. Do. Luvis Paul Soz
Mongllur Diesejicho Nivrit't Bisp

Canara Catholic Kazaramni Vovio

Konknni Somskritichim Odhyoin Lekonam

Ma|Ba|Michael Santhumayor

Konkonngar Prokoxon

ಅರ್ಪಣ್ अर्पण Orponn

ಮ್ಹಾಕಾ ಯಾಜಕೀ ಜಿಣ್ಯೆಕ್ ಸಮರ್ಪುನ್ ಬರ್‍ಯಾ ಸಂಸ್ಕೃತೆಂತ್
ಅನಿ ಭಾವಾಡ್ತಾಂತ್ ವಾಡಯಿಲ್ಲ್ಯಾ
ಮ್ಹಜ್ಯಾ ದೆವಾಧೀನ್ ಆವಯ್ ಬಾಪಯ್ಕ್; **ಶ್ರೀ ಆಂತೊನಿ ಸಾಂತುಮಾಯೊರ್**
ಆನಿ **ಶ್ರೀಮತಿ ರೋಜಾ ಪಿಂಟೊಕ್** ಹಿ ಕೃತಿ ಗವ್ರವಾನ್ ಅರ್ಪಿತಾಂ.

म्हाका याजकी जिण्येक समरपुन बरया
संसकृतेंत अनी भावाडतांत वाडयिल्ल्या
म्हज्या देवाधीन आवय बापयक; श्री आंतोनी सांतुमायोर
आनी श्रीमती रोजा पिंटोक ही कृती गवरवान अरपिवतां.

Mhaka yazoki jinnyek somorpun borea
somskritent oni bhavaddtant vaddoyil'lea
mhojea devadhin auy bapoik; **Sri Anthony Santhumayor**
ani **Xrimoti Roza Pintok** hi kriti gourovan or.

8322
Article → Kon
VAH

Canara Catholic Kazaramni Vovio

Konknni Somskritichim Odhyoin Lekonam

Ma| Michael Santhumayor